'आमोणें'

'AMONNEM'

7123
Folk Literature
JAY

7123
Folk Lit.
JAY

आमोणें

एक लोकजीण

आमोणें

एक लोकजीण

जयंती नायक

गोवा कोंकणी अकादेमी

आमोणें
एक लोकजीण

AMONNEM
YEK LOKJINN

जयंती नायक

Jyanti Naik

© गोवा कोंकणी अकादेमी

© Goa Konkani Akademi

उजवाडावपी :
वि. म. धुमे
सचिव,
गोवा कोंकणी अकादेमी,
पणजी, गोंय. ४०३ ००१

Publisher :
V. M. Dhume
Secretary,
Goa Konkani Akademi,
Panaji-Goa. 403 001.

छापपी :
राजहंस ऑफसेट
मीनाक्षी बिल्डिंग,
पणजी – गोंय. ४०३ ००१

Printer :
Rajhauns Offset
Minaxi Building,
Panaji-Goa. 403 001

मुखचित्र :
श्रीधर कामत बांबोळकर

Cover :
Shridhar Kamat Bambolkar,

पयली आवृत्ती : १९९३

प्रती : एक हजार

मोल : रु. १५०/–

First Edition : 1993

Copies : One Thousand

Price : Rs.150/-

आमोणें – एक लोकजीण/१००

मांडावळ

दोन उतरां :

'आमोणें : एक लोकजीण' हो ग्रंथ तुमच्या मुखार दवरतना आमकां खूब खोस जाता. लोकवेदशास्त्र म्हळयार समाजजिविताच्या सगळया आंगांचीं तरेकवार तासां दाखोवपी एक शास्त्र म्हळयार जाता. हांतूत इतिहास, भुगोल, समाजशास्त्र, संस्कृतीक जीण, धर्मीक परंपरा, जिबेवयली जतनाय बी विशयांचो आस्पाव जाता. लोकवेदाचो अभ्यास तरेकतरेन करुं येता, विशय घेवन, काळ घेवन वा प्रकार घेवन. पूण लोकवेदाचो आनी लोकजिवितांचो लागचो आनी जिवा–भावाचो संबंद दाखयतलो जाल्यार एक गांव घेवन त्या गांवाचो भुगोलीक, इतिहासीक, समाजीक आनी संस्कृतीक असो खोल अभ्यास करुन लोकवेदाच्या पाळां–मुळांकडेन वचून आयच्या लोकवेदाच्या जित्या–जिव्या पांनां–फुलांची वळख करुन घेवप हो एक सगळ्यांत बरो प्रयोग अशें म्हुणूं येता. हीच नदर दवरुन जयंती नायक हिणें गोंयच्या लोकवेदाचो अभ्यास केला. हो वावर करपाक जंयतीन फावो तें शिक्षण घतिल्लें आसा.

गोवा कोंकणी अकादेमीच्या वावराक १९८५ वर्सा सुरवात जाली आनी तेन्नापासून गोंयचो शेणिल्लो आनी हांगां–थंय फांफुडिल्लो लोकवेद एकठांय करपाक आनी सांबाळून दवरपाक अकादेमीच्या लोकवेद विभागान सुरवात केली. लोकवेदाच्या अभ्यासाक शास्त्रोक्त रुपकार दिवपाखातीर म्हैसूर विद्यापीठाच्या कन्नड अभ्यास केंद्राच्या लोकवेद विभागाचे मुखेली डॉ. जे. यस्. परमशिवय्या आनी अध्यापक डॉ. अंबालिके हिरिअण्णा हांकां मुजरत आमंत्रित करुन करुन अकादेमीन लोकवेदाचें एक शिबीर आयोजीत केलें आनी लोकवेद वावराचें प्रांत्यक्षीक करपाक पणजे लागसारच्या चिंबल गांवची उडटी अशी पारखणी केली. त्यावेळार लोकवेदाचो अभ्यास करतना चिंबल गांवांतलीं देवळां, घुमट्यो, घरां, खोपट्यो, हांचो बारकायेन नियाळ करुन गांवच्या लोकांच्यो चालीरिती तांचें नाचपगावप, हांचोय अभ्यास केलो, आनी दिसपाक ल्हान पूण लोकजीवनाचे नदरेन म्हत्वाच्या अशा वस्तींचीय बारीकसाणेन पारखणी केली. समाज जीवनाविशीं जी माहिती जाण्ट्यांकडल्यान मेळ्ळी ती एकठांय केली. अकादेमीच्या लोकवेद विभागाची अशेतरेन शास्त्रशुध्द पायाभरणी जाली.

ताच्या उपरांत गोवा कोंकणी अकादेमीन जयंती नायक आनी पुष्पा

कासकार ह्या लोकवेदाची आवड आशिल्ल्या चलयांक म्हैसूर विद्यापीठांत लोकवेद शास्त्राचो अभ्यास करपाक शिष्यवृत्ती दिवन धाडल्यो.

परिक्षेचो एक वांटो म्हण जयंतीन आपल्याच गांवचो, म्हणजे केपें तालुक्यांतल्या आमोणें गांवचो, लोकवेदशास्त्राचे नदरेन अभ्यास केल्लो आनी तो बरेतरेन विद्यापीठांत सुपूर्द करुन तिणें लोकवेदशास्त्राची पोस्ट ग्रॅज्युएट पदविका मेळयल्ली. शिक्षण घेवन गोवा कोंकणी अकादेमींत आयल्या उपरांत आमोणें गांवचेर तिणें जो अभ्यास केल्लो तोच मुखार व्हरुन तो ग्रंथरुपान उजवाडाक हाडचो अशी सुचोवणी आयली. ८९ ते ९२ ह्या तीन वर्सांच्या वावराचें हें फळ.

गोंयच्या गांवाचो समाजशास्त्र आनी लोकवेदशास्त्राचे नदरेन अभ्यास हे पयलीं जावना अशें न्हय. डॉ. श्रीमंत माळी हांचो 'चिंबल' गांवावयलो प्रबंध (A village in Goa) तसोच डॉ. ओलिव्हीन गोमिश् हांचो 'चांदर' गांवावयलो प्रबंध (Village Goa, A study of Goan social structure and changes) आनी डॉ. (श्रीमती) तेरेझा आल्बुकेर्क हिगेलो 'अंजुणें' गांवावयलो प्रबंध (Anjuna, Profile of a village in Goa) हाचे पयलीं उजवाडाक आयल्यांत. तरी ह्या दोन ग्रंथांनी लोकवेदशास्त्राक आनी लोकसाहित्याक फावो तितलें म्हत्व दिल्लें दिसना. ते नदरेन जयंतीचो हो ग्रंथ मात्सो आगळो–वेगळो अशें म्हुणूं येता. आमोणें गांव हो जयंतीचो खुद्द गांव आशिल्ल्या कारणान तिका त्या गांवच्यो खाणा–खुणो खबर आसात आनी त्या गांवच्या समाज जिवितांत ती समरस जाल्या. जिविताच्या अणभवाक अभ्यासाची जोड मेळिल्ल्या कारणान आपल्या गांवच्या इतिहासीक आनी संस्कृतीक जिविताचें तिणें पुराय चित्र चितारलां. अमोणेचो कोनशान कोनसो पांयांतळा घालून, घरां–घरांक भेट दिवन आनी जाणकार–गांवकारालागीं उलोवणीं करुन तिणें म्हत्वाची मोलादीक जाणविकाय एकठांय करुन तांचो आनी गांवच्या समाज जिविताचो संबंद दाखयला. इतिहासांत जाता तितल्या फाटीं वचून तिणें लोकवेदाचो उगम दाखोवपाचो यत्न केला. इतिहास जाणा जातलो जाल्यार भुगोलाचीय गरज लागता. जयंतीन केपें गांवचो नकासो तयार करुन तांतलीं म्हत्वाचीं थळां दाखयल्यांत आनी तांतुतल्या रानांवनांचो आनी शेतांभाटांचोय अभ्यास केला. लोकवेदाचो धागो घेवन अशेतरेन तिणें गोंयच्या एका गांवच्या पुराय लोकजिवनाचें रंगयाळें चित्र विणलां. जी सुवात, जी वस्त दिसता वा जें गीत जी कथा कानार पडटा तिचें पोरन्या काळांत दडिल्ले धागे–दोरे तिणें सोदून काडल्यात. तशेंच अमूक एक रीत कशी घडली, अमूक एक चाल कशी पडली ताचीं कारणां तिणें दाखयल्यांत. इतली माहिती एकठांय केल्या उपरांत तिणें ताची तर्कशुध्द मांडणी केल्या. पूण हें फकत केपें गांवचेंच चित्र न्हय. ह्या ग्रंथांत पुराय गोंयचेंय दर्शन जाता अशें म्हुणूं येता. जें केपें गांवाक लागू जाता, तें कांय अंशान सगळ्या गोंयच्या गांवांनीय दिश्टी पडटा, देखुनच वाचप्याक जायतीं गीतां आनी जायत्यो चाली–रिती हांचो हेर गांवच्या जिविताकडेन लागींचो संबंद आसा अशें दिसून येतलें. हो संबंद चड म्हत्वाचो

जेन्ना जेन्ना तुलना करूं येता आनी जेन्ना जेन्ना संबंद दाखवं येता तेन्ना तेन्ना ताचो उल्लेख जयंतीबायन केला. खंयचोय गोंयचो गांव आख्ख्या गोंयची एक धाकटुलीच प्रतिकृती अशें म्हळयार अतिताय जावंचीना. जसो आख्ख्या गोंयांत उदेंत आनी अस्तम हांचो मेळ सादिल्लो दिसता, तसोच तो केपेच्या आमोणें गांवांतय दिश्टी पडटा. जरी हो गांव नवे काबीजादींत मोडटा आनी बहुसंख्य लोक हिंदू धर्माचे उरतात तरी पोर्तुगीज राजकारभाराचो आनी अस्तमी संस्कृतायेचो प्रभाव ह्या गांवचेरय दिसून येता.

ह्या अभ्यासांतल्यान गोंयकाराचे अस्मितायेचें दर्शन जाता. उतरांक आदार म्हुणून छायाचित्रांचोय उपेग केला. ताचेवेल्यान वाचप्याक कल्पनेन तरी आमोणें गांवचें चित्र रंगोवपाक मेळटलें.

संवसार बदलता तसो समाजय बदलता. जयंतीन चित्रायल्ल्या केपें गांवचे रंगूय कालांतरान बदलतले वा पुसून वतले. नवे प्रभाव पडटकच फकत चाली–रिती, भेस, भासच न्हय तर लोकवेदय बदलता. लोकवेदशास्त्राच्या अभ्यासकान कालाच्या गतीमानतायेची दखल घेवंची पडटली. तशें खंयच्याय समाजाचें पुराय चित्र काडप कठिणच.

जयंतीन केल्लो हो ल्हानसोच प्रयत्न, प्रयोग हे नदरेन पळोवंचो पडटलो. गोंय ह्या धाकटुल्या राज्यांत तरेकवार आनी गिरेस्त अशा लोकवेदाचें दर्शन जाता. अशें म्हुणूं येतलें, गोंयचो खंयचोच फांतर उखलात, ताचे फाटल्यान आमकां एक तरी दंतकथा मेळटली.

ह्या अभ्यासांतल्यान व्यक्ती आनी कुटूंब हांच्या मदलें अतूट नातें ल्हव ल्हव करुन उक्तें जायत वता. गोंयकार हो खूब उलोवपी, उमेदी, नाचगीतांचो मोगी, कुटुंबाची व्हडवीक सांबाळपी आनी गांवचो अभिमान बाळगुपी.

गोंयच्या लोकवेदाचो सोद घेवपाचो वावर हाचे आदीं जायत्या जाणांनी केला. प्रा. लुसिओ रॉड्रीगीज हांणी गोंयच्या किरिस्तांवांच्या लोकवेदाचो खोलायेन अभ्यास केला. मांडो आनी दुलपदां हांचेवयले तांचे अभ्यासपूर्ण आनी वाचनीय अशे लेख मुंबय विद्यापीठाच्या जर्नलांत इंग्लीशींतल्यान उजवाडाक आयल्यांत. तांणी कोंकणी लोककथांचो इंग्लीशींत अणकार करुन 'Of Soil and Soul of Goa and Konkani Folktales' ह्या ग्रंथांत उजवाडाक हाडल्यांत. वि. स. सुखटणकार हांणी कोंकणी लोकगीतां आनी लोककथा हांचो आस्पाव 'Tales & Tellers of Goa' ह्या पुस्तकांत केला. नामनेचे संगीतशास्त्री आनी संगीतकार मिकायल मार्तीश आनी दोतोर जुझे पेरेर हांणी 'देखण्यो' हीं लोकगीतां 'A Sheaf of Dekhnnis' ह्या पुस्तकांत एकठांय केल्यांत. दोतोर जुझे पेरेरीचो 'Songs of Goa' होवय झेलो चड मोलाचो. हालींच प्रा. श्याम वेरेंकार हांचें 'गोंयच्या लोकवेदाचो रुपकार' हें पुस्तक गो. कों. अकादेमीन उजवाडाक हाडलां. भौ. वा. का. वाघ, ॲड. सुहास दलाल, श्री. विनायक खेडेकार, श्री पांडुरंग

फळदेसाय, हांणी लोकवेदाच्या गळार जायतो वावर केला. लोकवेदाचो वावर हो एकट्या–बुकट्याचो वावर न्हय. पद्धतशीरतरेन साधन–सामुग्री एकठांय करपाक वेळ जाय, दुडू जाय आनी योग्य ती यत्रंणा जाय. ह्या म्हत्वाच्या वावरपासत गोवा कोंकणी अकादेमी ताकत तसो आदार दिला. अकादेमीच्या पालवान जयंतीबायचीं 'रथा तुज्यो घुडयो' 'कणेर खुंटी नारी', 'तळय अधल्ली धेकयांनी', आनी 'मानांलीं गीतां' हीं लोकवेदावयलीं चार पुस्तकां निर्मणीक उजवाडाक आयल्यांत. केपें–आमोणें गांवाचेर जसो अभ्यास जालो तसोच गोंयच्या हर गांवचोय जावंचो हो अकादेमीचो एक आंवडो.

केपें गांवचो अभ्यास करपाक जायत्या जाणांचो आदार मेळ्ळो. तांणी केल्ल्या उपकारांची फेड जायना पूण तो आठवूंक येता. छायाचित्रकार श्री. कृष्णनाथ करमली हांणी आमच्याबरोबर आमोणें गांवचो कोनशान कोनसो मादडून छायाचित्रां काडलीं. श्री. वल्लभ दलाल हांणी आमोणे गांवासंबंदी माहिती एकठांवपाक जायतो आदार दिलो. चंद्रेश्वर देवस्थान कमिटीनय माहिती एकठांवपाक खूब सहकार्य दिलें. श्री. श्रीधर बांबोळकार हांणी सोबीत सुंदर चित्र काडून दिलें. राजहंस ऑफसेट हे संस्थेन छापणावळ करून दिली.

ह्या ग्रंथाचो आत्मो म्हळ्यार माहितीगार. आमोणें गांवांत राबितो करून आशिल्ल्या दर एके जातीच्या आनी दर एके जमातीच्या मुखेल्यान वा एका तरी जाण्ट्यान ह्या वावराखातीर आपलें सहर्काय दिलां, वेळ दिला, आपल्या घराण्याच्या खाशेल्या कथा–दंतकथांचो ठेवो दिला. त्या सगळ्यांच्या नांवांचो हांगा उल्लेख करप शक्य ना. पूण श्री. बाबय गांवकार, श्री. उत्तम गांवकार, श्री. रत्नाकर शेटकार, श्री. कृष्णा शेटकार, श्री. प्रभाकर बोरकार, श्री. शिमांव फुर्तादू, श्री. शांताराम जोशी, श्रीमती सत्यभामा येसो गांवकार, श्रीमती रमाबाय पर्वतकार, श्री. धर्मा जोतकर, हांचो हांगा मुजरत उल्लेख करुंक जाय.

ह्या वावराक म्हत्वपुर्ण अशी माहिती दिवपी जाणाकारांमदले श्री. येसो गांवकार, श्री. आलेस फेर्नांडीस, श्रीमती येसुबाय आमोणकार, श्रीमती कुरकेलबाय फेर्नांडीस, श्रीमती भिमाबाय देसाय, आमचेमदीं आज ह्या संवसारांत नात. पूण तांणी दिल्ली माहिती ह्या ग्रंथाचे निर्मितीक लाखमोलाची थारली. तांकां आमची आर्गां.

शेवटाक, ह्या पुस्तकाक आकार दिवपाक जाणीं आदर दिलो त्या सगळ्यांचेच आमी उपकार मानतात.

मनोहरराय सरदेसाय,
मुखेली, लोकवेद विभाग,
गोवा कोंकणी अकादेमी

१

गांवची वळख

अ. शिमो आनी शेजार

गोंय राज्याचे उत्तरेक तेरेखोलची न्हंय आसा आनी तिचे पलतडी सावंतवाडी आसा. पूर्वेक सह्याद्री. दक्षिणेक कारवार जिल्हो (कर्नाटक) आनी पश्चिमेक अरबी समुद्र आसा.[१]

पोर्तुगेज गोंयांत येवचेपयलीं गोंयचो क्षेत्रविस्तार हाच्याकूय व्हडलो आशिल्लो आनी ताच्यो शिमो वेळावेळार बदलताल्यो. पूर्विल्ल्या गोंयच्यो शिमो कुडाळसाकून सदाशिव गडमेरेन पातळिल्ल्यो आशिल्ल्यो.[२]

गोंयचे जमनिचें क्षेत्रफळ ३७०२ कि. आसा. १५° – ४७′ – ५९″ आनी १४° ५३′ – ५७″ उत्तर रेखांश आनी ७३°– ४०′ – ५४″ आनी ७४° – २०′ – ११″ पूर्व अक्षांश हांचेमदीं गोंय वशिल्लें आसा.[३]

१९९१च्या लोकसंख्या गणनेप्रमाण गोंयची लोकसंख्या ११,६८,६२२ आसा. ५,९३,५६३ दादले ५,७५,०५९ बायलो.[४] ३० मे १९८७ दिसा गोंयाक राज्याचो दर्जो मेळ्ळो, पूण ते पयलीं गोंय एक संघप्रदेश आशिल्लो. राजकारभार पळोवपाखातीर ताची इकरा तालुक्यांनी वांटणी केल्ली आशिल्ली. ह्या इकरा तालुक्यांचीं नांवां, उत्तरेकडल्यान सुरू करून, दक्षिणेचे दिशेन सोंपयत जाल्यार फुडें दिल्यात ते प्रमाण आसात : पेडणें, बारदेस, दिवचल, सत्तरी, तिसवाडी, फोंडें, सांगें, मुरगांव, साश्ट, केपें आनी काणकोण.

गोंयांत सगळयांत व्हडलो तालुको सांगें आनी सगळयांत ल्हान तालुको मुरगांव.[५].

राज्याचो दर्जो मेळ्ळ्या उपरांत गोंय सरकारान, गोंयचो राजकारभार पळोवपाखातीर, ताची वेगळेतरेन विभागणी केली. सरकारी Notification No. १६/१५/८७ – R.D. ता. ३ ऑगस्ट १९८७ प्रमाण गोंयची 'उत्तर गोंय' आनी 'दक्षिण गोंय' अश्या दोन जिल्हांनीं वांटणी जाली. उत्तर गोंयांत 'स' तालुक्यांचो आस्पाव जालो जाल्यार दक्षिण गोंयांत 'पांच' तालुके उरले.[६]

१९८१ च्या लोकसंख्या गणने प्रमाण गोंयांत १५ शारां आशिल्ल्याची नोंद मेळटा. हांतलीं ९ शारां हीं 'नगरपालिकेचीं शारां' (Municipal towns) जाल्यार उरिल्लीं ६ शारां ही 'लोकसंख्या गणनेचीं शारां' (Census towns). वाळपय आनी पेडणें तालुको सोडून हेर सगळ्या तालुक्यांचीं. मुखेल थाणीं हीं नगरपालिकेचीं शारा आशिल्लीं. पेडणें आनी वाळपय शिवाय उत्तर गोंयांतलीं कळंगूट आनी शिवोली, तशेंच दक्षिण गोंयांतलीं कुंकळ्ळी आनी कुडचडें हीं शारां लोकसंख्या गणनेचीं शारां आशिल्लीं.[८]

१९८८ च्या लोकसंख्या गणने उपरांत गोंय सरकारान, उत्तर गोंयांतलीं पेडणें आनी [illegible] तशेंच दक्षिण गोंयांतलीं, कुंकळ्ळी आनी कुडचडे हीं शारां नगरपालिकेचीं शारां म्हूण जाहीर केलीं.[८]

लोकसंख्या, आकार, उद्योग धंदे आनी हेर गजालींचो लक्षांत घेवन १९९१ चे लोकसंख्या गणनेंत सरकारान १८ नव्या शारांची (लोकसंख्या गणनेचीं शारां) भर घाल्ली. (उत्तर गोंय – १२, दक्षिण गोंय – ६) आयचे परिस्थितींत गोंयांत ३२ शारां आसात. हांतलीं १३ नगरपालिकेचीं शारां, जाल्यार १८ लोकसंख्या गणनेचीं शारां.[९]

गोंय, दमण आनी दीव सरकारच्या Notification No. RD/LND/213 ९१–९२ /II. ता. १५ फेब्रुवारी १९७१ प्रमाण गोंयांत सगळे ४२९ उत्पन्नाचे गांव (Revenue Villages) आशिल्ले. १९९१ च्या लोकसंख्या गणनेंत हांतले ४६ गांव आनी, आनीक एका गांवाचो कांय भाग, वयर सांगिल्ल्या ३१ शारांमदीं आस्पावून घेतला. देखून आयचे परिस्थितींत गोंयांत ३८३ उत्पन्नाचे गांव आसात.[१०]

१९९१ वर्सा, गोंयच्या गांवांची आनी शारांची आंकडेवारी सकयल दिल्ल्याप्रमाण आसा :

राज्य / जिल्हो	आकडे	
	गांव	शार
१	२	३
गोंय	३८३	३१ (१३)
उत्तर गोंय	२३३	१८ (६)
दक्षिण गोंय	१५०	१३ (७)

(कंसांत दिल्ले आकडे नगरपालिका शारांचे.[११]

दक्षिण गोंयांत आस्पावपी, केपें तालुक्यांत सगळे मेळून ४२ उत्पन्नाचे गांव (Revenue Villages) आसात.[१२] तांचीं नांवां अशीं :

आमोणें	आमोलें	चायफी	कोडणें
अवेडें	बाळ्ळी	कोठंबी	कर्ल
असोळडें	बेनोर्डें	काकोडें	काजूर
अडणें	बारशें	कावरें	कुडचडें

कुसमण	मायणा	किटल	उदर्न
देंवस	मानगाळ	खेडें	शेळडें
फातर्पें	नाकेरी	केपें	शेळवण
गोकोळडें	नागवें	किसकर्ण	चिक–शेळवण
मोरपिर्ल	होडार	शिरवय	झानोडें
मोलकोपर्ण	पाडी	सुळकर्ण	
मळकर्णें	पिर्ल	तिळय	

केपें तालुक्याचे पूर्वेक, सांगें तालुको, पश्चिमेक साश्ट तालुको, उत्तरेक फोंडें आनी दक्षिणेक काणकोण तालुके आसात. केपें तालुक्याचे जमनिचें क्षेत्रफळ कि. ३४७.३० आसा.[१३]

केपें तालुक्यांत दोन शारां आसात : 'केपें' आनी 'कुडचडें'. धा पंचायती आनी दोन नगरपालिका. तशींच दोन पोलीस स्टेशनां आसात : केपें पोलीस स्टेशन आनी कुडचडें पोलीस स्टेशन.[१४]

१९८१ चे लोकसंख्या गणनेप्रमाण केपें तालुक्याची एकूण लोकसंख्या ५५५९३ इतकी आसा. हांतूत २८३६९ दादले आनी २७२२४ बायलो आसात. शारी लोकसंख्या २४८७९ आसा जाल्यार गांवगिरी लोकसंख्या ३०७१४ आसा.[१५]

केपें तालुक्यांत आशिल्ल्या सगळ्यांत व्हडल्या दोंगराचें नांव मोरपिर्ल. ताची उंचाय सुमार १४५० फूट आसा.[१६] ह्या तालुक्यांत सरकारी नोंदणेप्रमाण ३२ देवळां, ६ इगर्जी, आनी ३ मशिदी आसात. बेतूल गांवांत भोंवडेकारांक आकर्शीत करपी दर्याची सोबीत वेळ आसा. 'पालासियु द दियांव' (Pala'cio De Deão) आनी 'शांतादुर्गा देवस्थान, फातर्पें', हे सारकीं इतिहासाकडेन संबंद जोडपी थळां आसात.

ह्या केपें तालुक्यांत, उत्तरेचे दिशेक 'आमोणें' नांवाचो एक गांव आसा. ह्या गांवचे जमनीचें क्षेत्रफळ १७४.९३ हेक्टर्स आसा. १९८१ वर्साच्या लोकसंख्या गणनेप्रमाण गांवची लोकसंख्या १०१५ आसा, हांतले ५१८ दादले, ४९७ बायलो. गांवच्या शिकिल्ल्या लोकांचो आकडो ३७६ इतको मेळटा.[१७] सद्याचे परिस्थितींत गांवांतल्या घरांचो आकडो २२२ असो मेळटा, जाल्यार रावतीं घरां, गोठे, जळव वा हेर सामान दवरपाखातीर बांदिल्ल्यो खोपी हें सगळें मेळून तांचो आकडो ३११ भरता.[१८]

आमोणें गांव 'कुशावती' न्हंयेचेर वसला. तो 'चंद्रवाडी' म्हालाचो मुखेल गांव. (एकाकाळार गोंयची जमीन म्हालांनी विभागिल्ली.) हो चंद्रवाडी म्हाल, जांबावले पंचम्हालांतल्या म्हालांपैकी एक. जांबावले पंचम्हालांतल्या म्हालांचीं नांवां अशीं : हेमाडबारशें, काकोडें, अष्टग्रहार, चंद्रवाडी आनी बाळ्ळी.[१९]

आमोणें गांवचे पश्चिम दिशेक कुशावती न्हंय आसा. सांगें तालुक्यांत उगम जाल्ली ही न्हंय, आमोणे गांवाक वेटाळो घालून शेजारच्या चांदर गांवच्यान भायर सरून शेळवण गांवांत येवन जुवारी न्हंयेक मेळटा. पुर्वेक शेळडें गांव, दक्षिणेक शिरवय गांव, उत्तरेक चायफी आनी अवेडें गांव आसात.

गांवचे पश्चिमेक, कुशावती न्हंये पलतडी आसा कुसमण गांव.

साश्ट तालुक्यांतल्या पाड्डें गांवांत एक व्हडलो दोंगर आसा. *ताचें नांव 'चंद्रनाथ पर्वत'.* ताका निखटो 'पर्वत' अशेंय म्हण्टात. चंद्रनाथ पर्वत ह्या *उतरा परस चंद्रवाडीत, 'पर्वत' हेंच उतर* चड चालंत आसा. चंद्रनाथ पर्वत जरी पाड्डें गांवांत आसलो तरी *पुर्विल्ल्या इतिहासाची सुरवात* करीत तर एका काळार ताचो आमोणें गांवाकडेन घट संबंद *आशिल्ल्याचें दिसून येता. हो चंद्रनाथ* पर्वत समुद्रपातळेवयर सुमार ११५० फूट उंचायेचेर आसा."

कांय वर्सां फाटीं, आमोणें गांवच्या कटो वाड्याचो कांय भाग *केपें नगरपालिकेच्या वाट्याक* (ह्या भागाचे शासकीय वेव्हार केपें नगरपालिका पळयताली) गांवचे *सगळे शासकीय वेव्हार पाड्डें*–आमोणें ग्रामपंचायत पळयताली.१९८५ वर्सा सावन पुराय गांवचेर, *केपें नगरपालिकेचे कायदे* लागू जाले.

मडगांवच्यान सांग्यार वचपी मुखेल रस्तो केपेच्या *बाजारांतल्यान भायर सरून दक्षिणेच्या* तोंकाक आमोणें गांवच्या मदल्यान वता आनी मुखार शिरवय गांवांत *भितर सरता. ह्याका लागून ह्या* जाग्यार, गांवचीं एक चार–पांच घरां रस्त्याचे पलतडी वेगळावन पडिल्ल्या *सारकीं दिसतात*.

आमोणें गांवांत भितर सरपाच्यो दोन मुखेल वाटो आसात :

१) दक्षिणेचे दिशेन : मडगांवच्यान सांग्यार वचपी रस्तो, कुसमण गांवची *शीम हुंपून सरळ आमोणें* गांवांत भितर सरता. पूण गांवांत भितर सरचे पयलीं कुशावती न्हंयेचेर *आशिल्लो पूल (केपेचो पूल)* हुंपचो लागता. आमोणें गांवांतल्यान मागीर तो रस्तो शिरवय गांवांत *भितर सरता आनी सरळ* मुखार वता. मडगांव–सांगें रस्तो (मडगांवच्यान सांग्यार वतना) *शिरवय गांवांत भितर सरचे* पयलीं, ताका दाव्यान एक फांटो फुटला. हो फांटो म्हणजे 'आमोणें–कोठंबी' *रस्तो. हो रस्तो*, आमोणें गांवच्या मदल्यान वचून मुखार अवेडें गांवांत भितर सरता आनी *थंयच्यान मागीर कोठंबी* गांवांत वता. मडगांव–सांगें रस्त्याकडल्यान आमोणें–कोठंबी रस्तो सुरू जाल्लो *तसो रेकडेंच* आठ–णव मिटरांच्या अंतरार ताका दाव्यान एक फांटो फुटला. हो फांटो मुळघुडी *कटयावयल्या* चंद्रेश्वराच्या देवळाकडल्यान मुखार वचून तारीपाणट्यार सोंपता. कोठंबी–*आमोणें रस्त्याक शेळडें* गांवांत वचपाखातीरय एक फांटो फुटला. हो फांटो कटोवाड्यावयल्या, मड्डी *पोटवाड्यावयल्यान* भायर सरून शेळडें गांवांत वता. केपेच्या पुलाकडल्यान सुमार साठेक मिटरांच्या अंतरार, *आमोणें* – कोठंबी रस्त्याक हो फांटो फुटला.

२) उत्तरेचे दिशेन : मडगांवच्यान सांग्यार वतना, कुसमण गांवांत भितर सरचे पयलीं, पाड्डे नांवांचो गांव लागता. ह्या पाड्डें गांवांतल्यान, अवेडें गांवांत भितर सरपा खातीर कुशावती न्हंयचेर आशिल्लो पूल (पाड्डेचो पूल) हुंपचो पडटा. ह्या पुलाकडल्यान अवेडें गांवांत वचपी रस्तो, मुखार वचून 'आमोणें – कोंठबी' रस्त्याक मेळ्ळा.

ह्या दोनय मुखेल रस्त्यांशिवाय आमोणें गांवांत भितर सरपाच्यो जायत्यो पांयवांटो आसात. गिमां दिसांनीं कुशावती न्हंयेचें उदक थोडें जालें म्हण्टकच लोक न्हंयेंतल्यानय चलत गांवांत भितर सरतात. न्हंयेचेर पूल बांदचे आदी न्हंय हुंपपाखातीर लोक तारीचोय उपेग करताले.

कोठंबी–आमोणें रस्तो, सुरवातेक एक पांयवाट आशिल्ली. पोर्तुगेजांचे राजवटींत तिका एका

रस्त्याचें रूप मेळ्ळें. गोंय मुक्ती उपरांत, शेळडें–आमोणें ग्रापंचायतीन ताचें डांबरीकरण केलें.

ह्या रस्त्यावेल्यान आजून एकूय सार्वजनीक वाहन चलना. केपें बाजारांत वचपी लोकांक, एक तर खाजगी वाहनांनी वच्चें पडटा, नाजाल्यार चलत तरी वच्चें लागता. वीस –पंचवीस वर्सांआदी लोक बैलगाड्यांनी यो वच करताले. आज एकाद्रो दुसरो गाडो फकत सामानाची हाड–व्हर करपाखातीर गांवच्या रस्त्यावेल्यान चलतना दिसता.

आमोणें गांवांत बाजाराची सोय ना. गांवच्या लोकांक खरेदीखातीर, केपें बाजारांत वच्चें लागता. केपें बाजारांत आयताराच्या दिसा 'बाजार' भरपाची चाल आसा. गोंयच्या वेग–वेगळ्या वाठारांतल्यान लोक भाजी, नुस्तें, फळावळ, आयदनां, खेळणीं, म्हारवत, कुमारत, कांसारवत अश्यो तरेकवार संवसारपयोगी वस्ती घेवन बाजाराक विकूंक येतात.

आमोणें गांवाक 'आमोणें' हें नांव ताच्या आमोणें नांवाच्या वाड्यावेल्यान पडलां अशें मानतात. ह्या आमोणें वाड्याक 'खुद्द आमोणें' अशेंय म्हण्टात. गावांत पयली वस्ती ह्याच वाड्यार जाल्ली. 'आमोणें' हें उतर मूळ 'आम्रवनं' ह्या संस्कृत उतरावेल्यान घडलां. हांतलें 'आम्र' म्हळ्यार 'आंबो', आनी 'वनं' म्हळ्यार 'रान'. हा आम्रवनं उतराचें अपभ्रंश जावन 'आमोणें' जालें अशें मानतात.

आमोणें वाड्यार आंब्याचीं झाडां खूब आशिल्ल्यान, एकातेंपार ताका 'आमोणें' हें नांव लोकांनी दवरलें असो जो समज आसा, त्या समजाक आजय ह्या वाड्यार भोंवल्यार घटसाण मेळटा. आयज ह्या वाड्यार आंब्याची खूब झाडां दिसतात.

गोंयांत आमोणें नांवाचो आनी एक गांव आसा, दिवचल तालुक्यांत.

'आमोणें' उतराचे व्युत्पत्तेविशीं वयर जें विधान केलां, त्या विधानाक दिवचल तालुक्यांतल्या ह्या आमोणें गांवांत एक भक्कम आदार मेळटा. ह्या गांवांत बेताळाचें एक देवूळ आसा. त्या देवळाच्या मुखेल दरवट्यार देवळाचे स्थापनेविशीं बरयल्ली एक पाटी आसा. ते पाटयेर 'श्री शाळिवाहन शके १६८६ तारछब्दे पौष वद पंच्यमि शनौदिने आम्रवर्णग्रामे श्री वेताळ देवालय प्रारंभः' अशीं संस्कृतांत बरयल्लीं उतरां मेळटांत.[२१] हांतलें 'आम्र' म्हळ्यार 'आंबो' आनी 'ग्रामे' म्हळ्यार 'गांव'. मात 'वर्ण' हें उतर पूर्विल्ल्या 'वर्ण' परंपरेकडेन संबंदीत नासून तें मुळच्या 'वनं' ह्या उतरावेल्यान घडलां आसूंक जाय.

दिवचल आमोण्यांतय आंब्याचीं भरपूर झाडां आसात आनी त्या झाडांक लागूनच त्या गांवाक 'आमोणें' नांव पडलां अशें गांवच्या जायत्या जाण्टेल्यांचें मत आसा.

केपें–आमोण्यांत आज मेळपी सगळ्यांत पोन्नें लिखाण म्हळ्यार धाव्या शतमानांत गोंयच्या एका कदंबराजान आमोणेच्या भटांक दिल्लें अधिकार पत्र. त्या पत्रांत गांवचो उल्लेख 'आमोणें' असोच मेळटा. हाचोच अर्थ धाव्या शतमानांतय ह्या गांवचें नांव 'आमोणें' अशेंच आशिल्लें.

नवो गांव वसयतना, त्या गांवाक आपूण सोडून आयिल्ल्या आपल्या मूळ गांवचें नांव दिवपाची चाल एकातेंपार वसाहतकारांमदीं आशिल्लीं. आमोणें गांवच्या शेजारच्या शेळडें, कोठंबी आनी हेर कांय गांवांक अशेचतरेन नांवां पडिल्ल्याची माहिती मेळटा. शेळडें गांवचे वसाहतकार

'गांवस देसाय' हे मूळ दिवचल तालुक्यांतल्या 'शेंद्रे' गांवचे. आमोण्या कुळीक नवो गांव वसयतकच ताणीं ताका 'शेंद्रे' हेंच नांव दिलें. शेंद्रे उलगाचे उपरांत 'शेळदें' जालें. 'कोठंबी' गांवचे 'प्रभुदेसाय' हेवूय मूळ दिवचल तालुक्यांतल्या 'कोठंबी' गांवचे. आमोणी गांवच्या भेजाराक नवो गांव वसयल्या उपरांत ताणीं ताका 'कोठंबी' हें आपल्या मूळ गांवचेंच नांव दिलें अशें सांगतात.

आमोणें गांवासंबंदान हे चालींत थोडो फरक पडिल्लो दिसता. ह्या गांवची वसणूक गांवच्या गावडी जमातीच्या घराण्याकडल्यान जाली. ह्या घराण्याचो मूळ पुरूस दिवचल तालुक्यांतल्या 'नार्वें' (पोरणें नार्वें) गांवचो. पूण त्या वेळावयल्या चालीप्रमाण नवो गांव वसयतकच, ताणें गांवाक आपल्या मूळ गांवचें म्हणजे नार्वें गांवचें नांव ताणें दिल्लें दिसना. म्हूणच 'आमोणें' हें नांव ह्या गांवाक कशें पडलें ? असो एक प्रश्न उप्रासता. ह्या प्रश्नाक जाप मेळटा ती अशी : आमोणें वसयल्लो नवो जागो आंब्यांच्या झाडांनी दाटिल्लो पळोवन नार्वें नांवापरस, आमोणें हें नांव ताका चड सोबीत दिसतलें अशें चिंतून गांवच्या त्या वसाहतकारानी वा ताच्या फाटल्यान आयिल्ल्या लोकांनी गांवाक तें नांव दिलें आसूंक जाय.

ह्या शिवाय आनी एक शक्यताय आसा ती अशी : गांवची वसणूक करपी गावडी जमातीच्या मनशांनी आमोणें हें नांव गांवाक दवरलें ना, तर तांच्या फाटल्यान गांवांत आयिल्ल्या भट-बामण समाजाच्या मनशांनीं 'आम्रवनं' हें संस्कृत नांव गांवाक दवरलें आसूंक जाय. कारण तांच्या उलवण्यांत आनी वेव्हारांत संस्कृत उतरां घोळटालीं. ह्या 'आम्रवनं' उतराचें उपरांत अपभ्रंश जावन 'आमोणें' जालें आसतलें.

खुद्द आमोण्याक एकातेंपार 'भार्गवपुर' म्हुणूनय वळखताले. गोंय वसयतकच परशुरामान (पुराण पुरूस) शाण्णव भटांची कुळां त्रिहोत्रपुरांतल्यान गोंयांत हाडलीं अशी एक आख्यायिका आसा. परशुराम हो भार्गवकुळी जाल्ल्यान ताका 'भार्गव' म्हुणूनय वळखतात. ताचेवयल्यान ताणें हाडलें असो समज आशिल्ल्या भटांकय 'भार्गव' म्हणपाची चाल आशिल्ली.

एका काळार चंद्रवाडींत फकत खुद्द आमोण्यांतच 'भार्गवांची' वस्ती आशिल्ली देवून त्या जाग्याक भार्गवपुर हें नांव पडलें अशें सांगतात.

आमोणें गांवाक एका काळार 'मणी' हेंवूय नांव आशिल्ल्याची माहिती शणै गोंयबाबाच्या 'वलिपत्तनाचो सोद' ह्या पुस्तकांत मेळटा [२२]. मात गांवांत सद्याक उपलब्ध आशिल्ल्या जुन्या कागदपत्रांनीं ताचो उल्लेख मेळना. तशेंच गांवच्या कोणाय जाण्ट्याक हे विशीं आज माहिती आशिल्ली दिसना.

टीप :

प्रकरण : १ (अ)

१ – गोमंतकाचा भुगोल, भाग १ ला, पृ. ४
२ – आजचा व कालचा गोमंतक, पृ. ९.
३ – District Census Handbook, 1981.
४ – Census of India 1991, Series-6.

५ – *गोमंतकाचा भुगोल – भाग १, पृ. ७.*
६ – *Census of India - 1991 Series-6.*
७ – *Census Of India, 1991, Series-6.*
८ – *Census of India 1991, Series-6.*
९ – *Census of India - 1991 Series-6.*
१० – *Census of India - 1991 Series-6.*
११ – *Census of India - 1991 Series-6.*
१२ – *सरकारी राजपत्रक, क्र. ४६, पणजी, १८ फेब्रुवारी १९७१, पृ. ४१४.*
१३ – *आदर्श तक्तो, केपें मामलेदार कचेरी.*
१४ – *आदर्श तक्तो, केपें मामलेदार कचेरी.*
१५ – *District Census Handbook, 1981.*
१६ – *गोमंतकाचा भुगोल, भाग –१, पृ. ८.*
१७ – *District Census Handbook, 1981.*
१८ – *गौरव ग्रंथ : श्री संस्थान चंद्रेश्वर भूतनाथ पारोडें, पृ. ३८.*
१९ – *गोमंतकाचा भुगोल, भाग – १, पृ. ८.*
२० – *गोमंतकाचा भुगोल भाग–१, पृ. ८.*
२१ – *पळयात : फोटो – २१*
२२ – *वलिपत्तनाचो सोद – शणै गोंयबाब.*

आ. रचणूक आनी मांडणी

आमोणें गांवांत रावपी गावडी जमातीचे (हिंदू) लोक हे गांवचे वसाहतकार. ते गांवचे 'गांवकार', देखून तांच्या वाड्याक 'गांवकार वाडो' अशें म्हण्टात. गावडी जमातीच्या पूर्वजान आज जाका 'खुद्द आमोणें' म्हण्टात त्या जाग्यार पयली वस्ती केली. उपरांत गांवांत आयिल्ल्या हेर घराण्यांनीं तांच्या वाड्याक कोयडें करून आनी न्हंय लागी पडटली अशी नदर दवरून वस्ती केली. गांवकार वाडो हो गांवचे वस्तेचो केंद्रबिंदू जावन आसा.

गांवकार वाड्याकडल्यान गांवचे वस्तेक सुरवात जाली आनी ती विस्तारली. सगळ्यांत चड विस्तार जालो दक्षिणेचे दिशेन. उत्तरेकडच्यान सामको कमी आनी पुर्वेवाटेच्यान मर्यादीतपणान जालो. पश्चिमेचे दिशेन न्हंय आशिल्ल्यान ते वाटेन विस्तार जावूंकच पावलोना.

सुरवातेक जाणीं गांवांत वस्ती केली, त्या गावड्यां शेजरा बामण येवन रावले. बामणांचे कुशीक भट रावले. भटांनी आपल्या शेजरा आपल्या घरभाटांनी बन्यांक जागो दिलो. उपरांत आयिल्ले मडवळ बन्याचे कुशीक रावले. जे किरिस्तावं गांवांत पयलीं आयले ताणीं हिंदूच्या वाड्याभोंवतणीं म्हळ्यार बन्याच्या शेजरा, थोडें अंतर दवरून, दक्षिणेचेच दिशेन वस्ती केली.

कटो वाड्यार जाल्ली नायक जातीची वस्तीय न्हंयेचे देगेरच जाली. नायकां उपरांत, त्या

वाड्यार आयिल्ल्या गडवळ जातीच्या दोन घराण्यांनीय तांच्या शेतान वस्ती केली. कोल्यामड्डी, सां फ्रांसीस वाडो आनी विठ्ठलामड्डी ह्या जाग्यांनी वस्ती उपरांत जाली.

गांवचे उत्तरेक, म्हळ्यार गांवकार वाड्याच्या माथ्यार वड वस्ती जाल्या. कुडतरीच्या (Curtorim) आयिल्लें, 'शेटकार' नांवाचें एक घराणें आनी 'फेर्नांडीस' आडनांवाचीं एक-दोन किरिस्तांवच घराणीं थंय येवन रावलीं. शेटकार घराण्याच्या विस्तारांतलीं पांच-स घरां आतां ह्या जाग्यार आसात. चाळीस वर्सां फाटीं, म्हार जातीचें एक घराणें ह्या वाड्यार येवन स्थायीक जालें आसा.

आगोणेच्या वसाहतकारांक आपलो पोटाचो प्रस्न सोडोवपाखातीर शेत पिकोवप खूब गरजेचें आशिल्लें, देखून ताणीं आपले वस्ते कुशीचें रान कापून आनी जमीन तयार करून शेत पिकोवंक सुरवात केली. कटो वाडो वसयल्ल्या नायकांनीय तांचें अनुकरण केलें. पूण जे पोरनीक म्हण आशिल्ल्यान आनी मेकळी जमीन नाशिल्ल्यान, ते वाटेच्यान शेतवड लायंक पावलेनात. पूर्वेक दिशेन व्हडली मड्डी आशिल्ली, थंयच लोकांनी शेतवड केली. हाकाच लागून आतां गांवचे पूर्वकडचे शिमेक शेतवडीन वेटाळो घाल्ल्याचो देखाव दिश्टी पडटा. कटो आनी कोल्यामड्डी तशेंच कटो आनी विठ्ठलामड्डी हांचेमदीं आशिल्ले मड्डेरय कट्यावेल्या वसाहतकारांनी थोडी शेतवड केल्या.

सुरवातेक, म्हळ्यार राजवटीचे अधिकार गांवांत पावचे पयलीं सगळ्या गांवचेर गांवकाराचीच सत्ता चलताली. जेन्ना राजवटीचे हक गांवांत रिगले तेन्ना चंद्रवाडी राज्याखातीर वेग-वेगळे वेव्हार सांबाळपी मनशांची गरज पडली. चंद्रेश्वर देवस्थानाखातीर सेवेकरी वर्ग तयार जाले आनी त्या सगळ्यांक तांचे चाकरेबदला आमोणे गांवची शेत-जमीन वांटून दिली. एका काळार आख्ख्या गांवचेर अधिकार आशिल्ल्या गांवकाराकडेन उपरांत फकत 'घराचे भाट' आनी देवबाबीखातीर सुटिल्ल्यो जमनी उरल्यो.

आमोणें गांवांत जी शेतवड आसा, तिका वेग-वेगळेकडेन, वेग-वेगळीं नांवां आसात. गांवचे लोकसंस्कृतीचो अभ्यास करतना ह्या नांवांचो खूब उपेग जाता. तांतल्या कांय नांवांची एक यादी हांगा दिता :

निगळ	आथाटो	गांवकारां मरड	संचीगाळ
ज़िवू – नमस	पाटो	थाणें	रावळा गाळ
मोगा – नमस	घोटकुणगो	शेपटो	हड्डे गाळ
गांवकारां – नमस	पावुलकुणगो	गाळींग	वागन्न
भटां – नमस	थाणग्याकुणगो	मळ	दलालां–मरड
खापड	बाळशेत	कोळ्यो	कान्याव्हाळ
फातरशेत	नाडाळ	व्हाळशें	देवाभाट
फोंडयो	मडवळां मरड	कुळीगोंबो	बांबर
			वज्रेघुडो

आमोणें गांव 'स' मुखेल वाड्यांनी विभागला. ह्या वाड्यांचीं नांवां अशीं :

१) आमोणें २) कोल्यामड्डी ३) सां फ्रांसीसवाडो ४) चाफ्याभाट ५) कटो ६) विठठलामड्डी.

पयलीं 'आमोणें' आनी 'कटो' अशे दोनच वाडे आशिल्ले, उपरांत हेर जाग्यांनी जशी नवी नवी वस्ती जाली तशे नवे नवे वाडे जल्माक आयले.

१) आमोणें :

ह्या वाड्याक 'खुद्द आमोणें ' अशेंय म्हण्टात. हो वाडो म्हणजे गांवचें काळीज. गांवांत पयली वस्ती ह्याच वाड्यार जाली. गांवचे देवबाबीचे मुखेल जागे ह्याच वाड्यार गर्दी करून आसात. केपेच्या पुलाकडल्यान हो वाडो अडेच कि.मी. पयस आसा, जाल्यार पाड्डेच्या पुलाकडल्यान तो दोन किलोमिटरांच्या अंतरार आसा.

हो वाडो पांच पोट–वाड्यांनी विभागला. ते पोट–वाडे अशे :

चिंचेमळ :

ह्या जाग्यार वस्ती जावंचे पयलीं, हो वाडो म्हणजे झाडा–पेडांनीं दाटिल्लें एक 'मळ' आशिल्लें. ह्या मळार चिंचेचीं खूब झाडां आशिल्लीं, देखून ताका 'चिंचेमळ' अशें नांव पडलें. आजय ह्या जाग्यार चिंचेचीं झाडां खूब दिसतात.

ह्या पोट–वाड्याचेय आनीक भाग जाल्यात. वाडयाच्या पूर्वेकडल्या भागाक 'पांय गाळ' म्हण्टात, तर पश्चिमेकडलया भागाक 'चिंचेमळ' हेंच नांव आसा.

गांवकार वाडो :

हो वाडो चिंचेमळाक तेंकून आसा. आमोणें गांवांत, हो वाडो सगळ्यांत पयलीं जल्माक आयलो. गांवच्या म्हाल जल्म्यान ह्या जाग्यार पयली वस्ती केली अशी माहिती मेळटा.

गांवकार वाड्याचे तीन भाग उरतात. १) खुंटयेभाट २) घरचें भाट आनी ३) चिड्डूगाळ.

म्हालखुंटये भोंवतणी जो जागो आसा, तो खुंटयेभाट. ह्या खुंटयेभाटांत आज थाणगी रावता. शिवाय गांवकार घराण्याचीं दोन घरां आसात.

घरच्या भाटांत आसा, म्हाल जल्म्याचो मठ. थाणग्याच्या मठाचे आनी कलवंताच्या मठाचे अवशेशय आज ह्या वाड्यार पळोवंक मेळटात. गांवकार घराण्याचीं स–सात घरां ह्या जाग्यार आसात.

चिड्डुगाळींत कुळकर्ण्याचें मूळ घर आशिल्लें. आज ताजे हयन्हयशे अवशेश दिसतात. शिवाय गांवकार घरण्याचीं तीन–चार घरां आसात.

सकयलो वाडो :

गांवकार वाडो आनी वयलो वाडो हांच्यामधें ह्या पेठ-वाड्याची जमीन सकयल आशिल्ल्यान ताका सकयलो वाडो हें नांव पडलें. मुखावेल हांगा भटांची दोन घरांची वस्ती आशिल्ली उपरांत मडवळाचें एक घराणें ह्या वाड्यार येवन रावलें. ह्या मडवळ घराण्याच्या विस्ताराचीं दोन घरां आनी बन्न्यांच्या जातीचीं चार घरां आज ह्या वाड्यार दिसतात.

वयलो वाडो :

ह्या वाडयाच्या नांवावेल्यानच हो वाडो उंचायेर आसा म्हणपाचें कळटा.

ह्या वाड्यार भटांची दोन घरां आनी बन्न्यांच्या जातीचीं चार - पांच घरां आसात. मडवळ घराण्याच्या विस्ताराचेंय एक घर ह्या वाड्यार आसा.

देवाभाट :

सकयलो वाडो आनी पांयगाळ हांचे शिमेक तेंकून देवाभाट नांवाचो जागो आसा. ह्या जाग्यार किरिस्तांव गावडी जमातीचीं एक – दोन घरां आनी सुर्दीर जातीचीं दोन–तीन घरां आसात.

किरिस्तांव वाडो :

ह्या वाड्यार किरिस्तांव धर्माचे लोक रावतात देखून किरिस्तांव वाडो हें नांव पडलें.

ह्या किरिस्तांव वाड्याक तेंकून थोडो जागो आसा, ताका आज 'मळ्याभाट' नांवान वळखतात. एका तेंपार हांगाचे कांय जमनीक 'गुरविणी भाट' म्हण वळखताले. किरिस्तांव वाडो आनी कोल्या मड्डी हांचेमदीं 'कान्या व्हाळ' नांवाचो एक व्हाळ पावसाच्या दिसांनी व्हांवता. ह्या व्हाळाचे देगेर कान्याची खूब झाडां आसात देखून हें नांव. ह्या व्हाळा भोंवतणच्या शेत–मरडाक कान्या व्हाळांतलें शेत–मरड अशें म्हण्टात. पूर्वेकडले शेतवडींतल्यान सुरू जाल्लो हो व्हाळ पश्चिमेवाटेन वचून कुशावती न्हंयेक मेळटा. पश्चिमेवाटेन न्हंयेक मेळूंक वतना, ताका एके दोंगुल्लेच्या मुळसांतल्यान वच्चें पडटा. हे दोंगुल्लेर 'वज्रेघुडो' नांवाचो एक जागो आसा. ह्या वज्रेघुड्याकडल्यान कटो वाड्याचे शिमेक सुरवात जाता...

२) कोल्यामड्डी :

कोल्यामड्डेचे दोन भाग जातात. कोठंबी – आमोणें रस्त्यान कोठंबी वतना, उजव्यान थोडो जागो आसा, जाका कोल्यामड्डीच म्हण्टात. तशेंच रस्त्याच्या दाव्यान कोल्यामड्डेचो थोडो

भाग आसा.

एकातेंपार ह्या जाग्यार दाट 'मड्डी' आशिल्ली आनी हे मड्डेर खूब कोले आसताले, म्हण कोल्यामड्डी हें नांव पडलें.

३) सां फ्रांसीस वाडो :

ह्या जाग्याक आफरामेंत (आफोरामेंतु) अशेंय म्हण्टात. कोंठबी आमोणें रस्त्यान कोंठबी वतना, उजव्यान हो वाडो आसा. ह्या वाड्यार मुखेलपणान किरिस्तांवांची वस्ती मेळटा.

४) कटो :

हो वाडो तीन पोट– वाड्यांनी विभागला. मुळघुडीकटो , मड्डी, आनी पिंपळकटो.

चंद्रेश्वराचें जंय मुळघुडी देवूळ आसा, ताच्या भोंवतणच्या कांय वाठाराक मुळघुडीकटो अशें म्हण्टात. कोठंबी आमोणें रस्त्यान, कोठंबी वतना, रस्त्याच्या उजव्यान कटोवाड्याचे शिमेंत थोडी वस्ती आसा, ह्या जाग्याक 'मड्डी' अशें म्हण्टात. एका तेंपार ह्या जाग्यार मड्डी आशिल्ली, हें वाड्याच्या नांवावेल्यानच स्पश्ट जाता.

सांगें – मडगांव रस्तो, आमोणें गांवच्या मदल्यान गेल्यान, गांवची थोडीशी जमीन रस्त्याचे एके कुशीक (सांग्यार वतना अजव्यान) वेगळावन पडिल्ल्यासारखी दिसता. ह्या जाग्याक 'पिंपळकटो' अशें म्हण्टात.

५) चाफ्याभाट :

कोठंबी आमोणें रस्त्याक मुळघुडी चंद्रेश्वराच्या देवळाकडेन वचपाखातीर एक फांटो फुटला. ह्या रस्त्यान देवळाकडेन वतना उजव्यान जो वाडो आसा ताका चाफ्याभाट म्हण्टात. ह्या पोटवाड्यार नायक जातीचीं कांय घरां आसात, तशेंच कांय किरिस्तांव धर्माच्याय लोकांचीं घरा आसात.

६) विठ्ठलामड्डी :

गांवचे पूर्वेक कटो वाड्याच्या शेजरा एक ल्हानसोच वाडो आसा. ह्या वाड्याक विठ्ठलामड्डी अशें म्हण्टात. ह्या वाड्यार मुखेलपणान किरिस्तांवांची वस्ती आसा. आज जंय हो वाडो आसा थंय पयलीं मड्डी आशिल्ली आनी ती शिरवय गांवांतल्या देवूळमळार रावपी, कुळकर्ण्याच्या घराण्यांतल्या 'विठ्ठल' नांवाच्या एका वंशजाचे मालकेची आशिल्ल्यान तिका

'विठ्ठलागद्दी' अशें म्हणटाले. आगांत ते गद्देर वसनी आसी नशि, [illegible]

गांवचे पश्चिमेचे दिशेन व्हांवपी कुशावती न्हंयेर गांवांत [illegible] 'पाणटे' आसात. उत्तरेकडल्यान सुरू करून दक्षिणेचे दिशेन सोपयत जाल्यार तीं [illegible] :

चांगेशा पाणटो
आंवळे पाणटो
शेटकारां पाणटो
खुंटगे पाणटो (गांवकारां पाणटो)
मडवळां पाणटो
बामणां पाणटो
असोळडेंकारां पाणटो
तारी पाणटो (आमोणें)

भटां पाणटो
किरिस्तांवां पाणटो
करमली पाणटो
[illegible] पाणटो
तारी पाणटो (कटो)
देवा पाणटो
सायबा पाणटो

कुशावती न्हंयचें उदक हरशीं सावें, पूण चडच भरती आयल्यार [illegible] वयर [illegible] उदक पाड्डेच्यान चांगेशापाणटो मेरेन वयर चडटा, गात ताच्याकूय वयर [illegible] उदक [illegible].

हें कुशावती न्हंयेक, 'पाड्डेची न्हंय' अशेंय म्हणटात. सांगे तालुक्यांतल्या [illegible] दोंगरांत तिचो उगम जाल्लो आसा. आग्नयेकडल्यान ती वायव्येचे दिशेन [illegible], केपें [illegible] तालुक्यांत व्हांवन वता आनी गांडवी न्हंयेच्या 'सांगेची न्हंय' अशें नांव आशिल्ल्या भागाक [illegible] मेळटा. ह्या संगमाक 'दोन मुखें' अशें नांव आसा.[१] हे न्हंयेचेर पाड्डे आनी चांदर ह्या दोन गांवांनी बंदरां आशिल्लीं.[२]

पावसाच्या दिसांनी गांवांत जायते व्हाळ व्हांवतात. पूण हांतले दोन व्हाळ म्हत्वाचे. कारण ह्या दोनूय व्हांळांचेर मडवळपणाचो धंदो करपी गांवचे लोक कपडे उमळटात. देखून तांका 'मडवळ व्हाळ' अशेंच नांव पडलां. हांतलो एक व्हाळ आमोण्यांत जाल्यार दुसरो कट्यार. आमोण्यांतलो व्हाळ 'फोंणयो' नांवाचे शेतवडींत आसा. तो शेतवडींत जल्मून थंयच आपलो अवतार सोंपयता, जाल्यार कट्यावेलो व्हाळ मड्डेवेले शेतवाडींत जल्मून न्हंयेक वचून मेळटा.

गांवची परंपरा कथन करपी, कितलिशींच देव–देवळां, आनी हेर लोकवेद म्हत्वाचे जागे गांवांत आसात. गांवचे वसणुकेचो अभ्यास करतना तांची मांडणी कशी आशिल्ली, हें जाणून घेवप, होवय एक म्हत्वाचो भाग. आमोणें गांवच्या लोकवेद महत्वाच्या जाग्यांची मांडणी अशी आसा :

म्हालखुंटी आनी हेर खुंटयो :

गांवची राखण करपाखातीर गांवांत खुंटयांची स्थापना केल्ली आसा. हांतली एक 'म्हालखुंटी'. हेर पांच खुंटयांमदली एक खुंटी पर्वतार आसा, जाल्यार बाकीच्यो चार खुंटयो गांवांत आसात.

गांवकार वाड्यार न्हंयचे धडेर गांवची म्हालखुंटी आसा. पर्वतावेली खुंटी पर्वतार 'थळांत'

आसा, जाल्यार गांवच्या हेर चार खुंटयांची स्थापना गांवच्या चारूय दिकांनी केल्ली आसा.

देंवचार :

गांवच्या चारूय शिमांचेर रावन खुंटयो गांवची राखण करतात. तरी पूण तांची नदर चुकोवन कसलेंय नश्ट–भश्ट गांवांत भितर सरनये म्हण दोन खुंटयांमदल्या अंतराची राखण करपाखातीर एक एक देंवचार नेमिल्लो आसा असो समज आसा.
उत्तर पूर्वेक चांगेश
उत्तर पश्चिमेक वजर्यो
पश्चिम दक्षिणेक नास
आनी
दक्षिण पश्चिमेक वागन्नांतलो देंवचार

म्हालजल्म्या मठ :

म्हालजल्म्या मठ खुद्द आमोण्यांत गांवकार वाड्यार आसा.

शेटकारां–जल्म्या मठ :

शेटकारां–जल्म्या मठ कटो वाड्यावेल्या मड्डी नांवाच्या पोटवाड्यार आसा.

गड्यां–मांड :

म्हालखुंटी आनी म्हालजल्म्या मठ हांचेमदीं गांवकार वाड्यार गड्यांचो मांड आसा. ह्या मांडार वड, आपटो आनी आंबो अशीं तीन झाडां आसात. मांडावेल्या आंब्याच्या झाडाक 'गड्यां–आंबो' म्हण्टात. 'गड्यांदीस' सोडून हरशी त्या मांडार कोणेंच वचपाक जायना अशें मानतात.

जोगणी–फांतोर :

'जोगण' वा 'जोगवण' म्हळ्यार गांवच्या खेत्र्याक वा शिमेराखण्याक गांवचे राखणेखातीर जागोवपाक वा याद करून दिवपाक केल्लो मान. आमोणें गांवांत जोगण चड करून कोंब्याची आसता.

हो जोगणी–फांतर म्हालखुंटयेच्या लागींच आसा. वर्साक एकदां, घराक एक हे प्रमाण ह्या

जोगणी फांतरार कोंब्याची 'दर' दिवन गांवच्या 'म्हालखेताक' [illegible] [illegible] घराण्याची राखण करपाखातीर विनयतात.

म्हालवारगत :

म्हालवारगतीचो फांतर म्हालखुंटयेच्या म्हयांन आसा.

शेटकारां–वारगत :

कटो वाड्यार नासाच्या जाग्याकडेन आसा.

मुदेश्वर :

गांवचे उत्तरेक, चायफी आनी आगोणें हांचे शिमेलागसार 'खांबामळार' आसा.

म्हालखांब :

चंद्रवाडीचो हो म्हालखांब खांबामळार मुदेश्वरा मुखार आसा.

आमोणेची सांतेर :

खुद्द आमोण्यांत, चिंचेमळार आसा.

कट्यावेली सांतेर :

मुळघुडी कट्यार, चंद्रश्वराचें मुळघुडी देवूळ आनी शेटकारांचो मूळ मठ हांचे मदीं आसा.

पिंपळा–पेड :

खुद्द आमोण्यांत सकयल्या वाड्यार आसा.

होळये–लेम (नेम) :

खुद्द आमोण्यांत सकयल्या वाड्यार, पिंपळापेडामुखार होळये–लेम म्हणजे होळी लासपाचो जागो आसा.

म्हालथाणे :

'थाणें' म्हळयार चवकशेचो जागो. ह्या जाग्यार एकातेंपार गांवच्या झगडीं–झुंजांचो निवाडो जातालो. गांवची 'गांवपणां' ह्याच जाग्यार जातालीं.

आमोण्यांतलें हें म्हालथाणें, चंद्रवाडीच्या बावीस वाडयांचें थाणें. चंद्रवाडीच्या हेर गांवांनी 'गांवठणां' आसात. गांवथाणें, ह्या मूळ उतराचो अपभ्रंश जावन 'गांवठण' हें उतर घडलां आसूंक जाय. गांवच्या बारीक सारीक झगड्यांचो निकाल ह्या गांवठणांनी लायताले, मात झगड्यांचे स्वरूप मोठें आसत जाल्यार ताजो निकाल म्हालथाण्यांत लावपाची गरज भासताली.

हें म्हालथाणें सगळयांक सोयीचें आसा आनी वांगडा खूब जाणांक बसूंक मेळटा, अश्याच जाग्यार खुद्द आमोण्यांतले वस्तेभायर उक्त्या मळार आशिल्लें.

ह्या थाण्यांत वडाचें एक खूब पोन्नें झाड आसा, ताका 'थाण्या–वड' म्हण्टात. ह्या वडामुळांत 'थाणगी' चवकशेक बसतालो. केन्ना केन्नाय चंद्रपुरचो राजा वा ताजो एकाद्रो सरदार–भालदार ह्या थाण्याक भेट दितल्याचें सांगतात.

आज थाणें ह्या अर्थान ह्या जाग्याचें म्हत्व सोंपला. ह्या जाग्यार आज सगळयाक शेतवड जाल्या. आज फकत वर्सांतल्यान एकदां 'धिणल्याच्या जेवणाक' ह्या थाण्यांत जमतात.

आंव्ड :

आमोणें गांवचो 'आंव्ड' हो चंद्रवाडीच्या बावीस गांवचो म्हालआंव्ड'.

ह्या आंव्डा संबंदान मेळटात त्यो आख्यायिका आनी हेर म्हायतीचो अभ्यास केलो जाल्यार 'आंव्ड' म्हळयार 'शिमेराखण्याक' वा 'गांवचे शिमे वीराक' मान करपाचो जागो असोच अर्थ काडचो पडटा.

'आंव्ड' हें उतर मूळ 'ओंडो' ह्या उतरावेल्यानन घडलां आसूंक जाय. कोंकणींत 'ओंडो' म्हळयार फांतरांची रास.

आमोण्यांत जाका आवंड म्हण्टात थंय फांतरांची एक व्हडली रास दिश्टी पटटा. हे फांतर सामके मोठे न्हय, सामको शेंकरो न्हय, अशे मदले अवस्थेंतले.

आमोणेचो आंव्ड गांवचे पूर्वेक थाण्यावयर, रावळागाळ नांवाची जी शेत–जमीन आसा, तांतूत आसा. ह्या जाग्यार आमोणें आनी शेळडें गांवची शीम एक जाता. हो जागो आमोणेच्या

भारद्वाज गोत्री भटांचे पालखेचो आशिल्ल्यान ताका 'भटां आंवड' अशें म्हणटात.

पयलीं आमोणेच्या लोकांक शेळदे गांवांत वचपाखातीर, त्या आंवडाकडच्यान एक वाट आशिल्ली. आमोणेच्यान शेळदे गांवांत वतना, वा शेळदेच्यान आमोणें येतना दिसता, त्या आवंडाच्या खेत्र्याच्या नांवान, त्या जाग्यार एक फातोर वडोवपाची वा झाडाची एक फांटी मोडून दवरपाची चाल आसा.

अशें सांगतात, आमोणें गांवांत केन्ना तरी एक व्हडलें झूज जाल्लें आनी त्या झुजांत गांवचे राखणेखातीर थाणग्याच्या एका पूर्वजाक आपलो जीव व्हगडावचो पडिल्लो. उपरांत गांवचे शिरेर गावच्यांनी ताची स्थापना केल्ली. ते वाटेन येवपी-वचपी मार्गीर थंय आशिल्ल्या त्या आंवडाक मान दिवपाखातीर आनी येतल्या वतल्या राज्याक आपली राखण करपाखातीर तागेर भावार्थान त्या जाग्यार एक एक फांतर दवरूंक लागले. अशेतरेन थंय फांतरांची एक व्हडली 'रांशी' जाली.

एका गांवच्यान दुसऱ्या गांवचे शिरेभितर सरतना थंयच्या शिरेराखणदाराच्या वा खेत्र्याच्या नांवान एकाद्रो फांतर, झाडाचो ताळो, खावंच्या पानाचो विडो, नाल्ल वा पयशे दवरपाची (वडोवपाची) चाल गोंयांन तशीच गोंयभायरय जायत्या जाग्यांनी आयज दिसता.

आमोणेचो आंव्ड आपल्या अधिकाराखाला येता आशिल्ल्यान, आमोणेचे भारद्वाज गोत्री भटांचे घराणें, आंव्डाच्या रक्षाकाक मान दिवपाखातीर ताज्या वंशजाक म्हळ्यार थाणग्याच्या घराण्यांतल्या पुताक वर्साक एक फांवट 'नवरात्रांत' आपल्या घरा आपोवन गोड-गोडशेंचें जेवण वाडून आनी नवें वस्त्र दिवन ताचो भोवमान करता.

आमोण्यांत आसा तशेच तरेचो एक आंव्ड पर्वतार आसा. मुळगांवच्यान पर्वतार वयर चडटना, वाटेर मेळपी ह्या आंव्डारय फांतर दवरपाची चाल आसा.

पांडवां–धरण :

वज्रेघुड्यार 'पांडवां – धरण' नांवाचो एक जागो आसा. ह्या जाग्यार व्हडले व्हडले पातळे फांतर मुद्दाम एकठांय हाडून दवरिल्ल्या भाशेन दिसतात. हे विशीं अशें सांगतात :

आपल्या वनवासाच्या काळांत पांडव आमोणें गांवांत पावले आनी तांणीं त्या जाग्यार कुशावती न्हंयचेर 'वजऱ्यार' धरण बांदपाचें थारायलें. तें धरण तांकां 'एके रातीन आनी एके वातीन' बांदपाचें आशिल्लें. पूण बांदतां बांदतां तांकां पिडूंक थंय मदींच 'कल' आयिल्ल्यान तांणी तें काम अर्दारच वडयलें आनी थंयच्यान पळ काडलो.

चंद्रेश्वराचें मुळघुडी देवूळ :

हें देवूळ कटो वाड्यार न्हंयचे धडेर आसा.

'मुळघुडी' म्हळ्यार सगळ्यांत मूळ वा व्हडली घुडी. चंद्रनाथ पर्वतार शिवरात्रेच्या उत्सवाक

श्री चंद्रश्वर देवाच्या रथाक जी मुळघुडी लायतात, ती दुसऱ्यादिसा पर्वतावेल्यान आमोण्यांत हाडून चंद्रश्वराच्या देवळांत एका 'कट्याचेर' पूजेक लायतात.

'कटो' म्हळयार 'सोपो'. पर्वतार वचपाक आयिल्ल्या चंद्रश्वरदेवान वाटेर आमोण्यांतल्या ह्या जाग्यार थांबून विसव घेतिल्ल्याचें सांगतात. कुसमणच्या दलाल घराण्याच्या एका पूर्वजान देवाक बसपाखातीर त्यावेळार लोड–गादी घाल्ली. त्या गजालीची याद म्हण देव विसव घेवपाखातीर बशिल्लो, त्या जाग्यार लोकांनी एक कटो बांदलो. उपरांत कांय काळान थंय देवूळ बांदलें असो समज आसा.

एका काळार, भायल्या राज्यांतल्यान वेपार घेवन येवपी तारवां, हांगाच्या तारीपाणट्यार येताली. त्या वेपाराचेर जकात लावपाखातीर चंद्रवाडीचो कुळकर्णी ह्या जाग्यार बसतालो. एका काळावयले जकात कचेरेचें उपरांत देवळांत रूपांतर जाल्याचेंय सांगतात.

गांवच्या व्हडल्या शिगम्याक चंद्रेश्वर–भूतनाथाचे अंवसर हेच मुळघुडयेच्या देवळांत उबे रावतात.

ह्या देवळांत चंद्रश्वराची मूर्त वा लिंग ना. गर्भकुडींत एक कटो आसा आनी त्या कट्यार मुळघुडी पुजेक लायिल्ली आसा. हालींच थंय चंद्रश्वर–भूतनाथाचो एक फोटो दवरला.

ह्या देवळामुखार पिंपळाचें एक पेड आसा.

म्हालब्रह्म्याचें देवूळ :

मुळघुडयेच्या देवळाक तेंकून म्हळयार देवाच्या उजव्यान न्हंयचे धडेर म्हालब्रह्म्याचें देवूळ आसा.

आंब्यावेल्या भाराचो जागो :

मुळघुडी देवळाफाटल्यान तारीपाणट्यार वचपाचे वाटेर आशिल्ल्या एका आंब्याझाडाचेर, आंब्यावेलो भार रावता अशें मानतात.

दत्ताचें देवूळ :

हालींच्या वीस वर्सांत बांदिल्लें हें देवूळ, सांगेच्यान मडगांव वतना उजव्यान केपेच्या पुलाकडेन कुशावती न्हंयेचे धडेर कटोवाड्यार आसा.

मारूतीची देवळी :

दत्ताच्या देवळागुडार मारूतीची देवळी आसा. हे देवळेगुडार [illegible]

चक्राखेत्र्याचो फांतर :

कटोवाड्यावयल्या गड्डी पोटवाड्यार, शेटकारांच्या नव्या [illegible] ही [illegible]

कॉट :

कॉट म्हळ्यार सपाट जगनीर बांदिल्लो किल्लो.[1]

सोंदेकार राजाचें एक कॉट खुद्द आमोण्यांत चिंचेमळार आशिल्याची [illegible]. ह्या कॉटाचे आज फकत अवशेश उरल्यांत. गातयेचे धडे आनी कॉटाभोंवतणच्या [illegible] खुणो [illegible] – न्हयश्यो कश्यो दिश्टी पडटात.

फाटलीं कांय वर्सां त्या कॉटाच्या जाग्यार वीट काडपाची भट्टी चलताली. [illegible] माती कॉटाच्याच धड्याची खणून काडिल्ल्यान आज तें धडें भुंयसपाट कडेन [illegible]

गड्यां–मसण्ण :

खुद्द आमोण्यांत नाडाळ नांवाचे शेत–मड्डेर ही मसण्ण आसा. वर्साक एकदां 'गड्यां–दिसा' ह्या जाग्यार कांय देवबाबी करपाच्यो आसतात.

कपेल :

कोल्यामड्डी, विठ्ठलामड्डी, सां फ्रांसिस्क वाडो, चाफ्याभाट आनी आमोणें ह्या वाड्यावयले किरिस्तांव केपेचे इगर्जेचे वांगडी, जाल्यार चिंचेमळ वाड्यावयले किरिस्तांव, पड्डेचे इगर्जेचे वांगडी. मात आमोणें गांवांत किरिस्तांव वाड्यार आशिल्ल्या कपेलाची सगळ्यांक लागणूक आसा.

पांयगाळींतलो खुरीस :

घरामुखार वा वाड्या–वाड्यार खुरीस बांदपाची चाल किरिस्तांवांमदीं आसा.

आमोणें गांवांत जायते खुरीस आसात, पूण एक खुरीस चड महत्वाचो. तो चिंचेमळवाड्यार

पांयगाळ नांवाच्या जाग्यार आसा. हो खुरीस भौशीक मालकेचो.

टीप :

प्रकरण : १ (आ)

१ – गोमंतकाचा भुगोल, भाग – १ , पृ. १४.
२ – गोमंतकाचा भुगोल, भाग – १ , पृ. २२.
३ – गोमंतकाचा भुगोल, भाग – १ , पृ. ३२.

फाटली वळख

अ. राजकी इतिहास

गोंयचेर ज्यो ज्यो राजवटी आयल्यो, तितल्यांचीय झळ आमोणें गांवाक लागली.

सनपयलीं दुसऱ्या वा तिसऱ्या शतमानांत कोंकण प्रदेस वा अपरांत मौर्यांच्या राज्याखाल्ल्या नंदतालो अशी माहिती मेळटा. सौराष्टांतल्या 'गिरनार', हिमालयांतल्या 'खालसी' आनी अफगाणिस्तानांतल्या 'शहाबाजगढी' ह्या तीन जाग्यांनी सांपडिल्ल्या सम्राट अशोकाच्या शिलालेखांवयल्यान क्रिस्त पयलीं तिसऱ्या शतमानांत अशोकान बौध्दधर्माच्या प्रचाराखातीर आपले शिष्य राष्ट्रीक (महाराष्ट्र), पेठानिक (प्रतिष्टान) आनी अपरांत (कोंकण) ह्या प्रांतांनी धाडिल्ल्याची माहिती मेळटा.[1]

'महावंसो' ह्या बौध्दधर्माच्या पुस्तकांतय अशोकाचे आज्ञेन 'मौद्गली पुत्र' हाणें 'महाराष्ट्र', 'अपरांत' आनी 'वनवासी' ह्या प्रांतांनी आपले धर्मप्रसारक धाडिल्याचो उल्लेख मेळटा. ह्या सिवाय 'सोपारें' हांगा इ. स. १८८२ वर्सा सर जेम्स कॅपबेल आनी पंडीत भगवानलाल हाणीं खणिल्ल्या बुध्दाच्या स्तुपांमदीं अशोकाचे आठवे आज्ञेचे कांय भाग मेळ्ळयांत[2].

गोंयांत रिवण, लामगांव, हरवळें, लोटली, आकें, रेडी ह्या गांवांनी बौध्दधर्मांच्या हिनयानपंथाचे सादे विहार मेळटात. ह्याच धर्मांतल्या महायान पंथाची दर्शक अशी बुध्दाची एक मूर्त इ. स. १९३० वर्सा फादर हेरस हांकां बारदेसाच्या कोलवाळ गांवांत मेळ्ळी. ती चड करून दुसऱ्या वा तिसऱ्या शतमानांतली आसतली अशें तांचें मत आसा[3]. तशेंच हरवळेच्या विहारांत सांपडिल्ल्या ब्राह्मी लिपयेच्या वळणावयल्यान तो विहार पयल्या शतमानांतलो [illegible] अशेंय ते अंदाज काडटात. गोंयांत बौध्द धर्माचो प्रसार 'पुण्ण' नांवाच्या बुध्दाच्या एका शिष्यान केलो आनी तो सुनापरान्तांतलो वेपारी आशिल्ल्यो अशी माहिती मेळटा.[4]

मौर्यांच्या पडट्या काळांत म्हणजे सनपूर्व पयल्या शतमानांत महाराष्ट्रा सारखी दक्षिण कोंकणाचेरय सातवाहन वा आंध्रभृत्याची सत्ता सूरू जाली. त्या वंशांतलो तेविसावो राजा पुलुमावी आंध्र हांच्या वेळार पश्चिम भारताचेर शक–यवन ह्या क्षात्रप तोळयांनी आक्रमण केलें आनी गोंय क्षात्रप राजांचे सत्तेखाला गेलें. ह्या क्षात्रप वंशाच्या पडट्या काळांत गोंयांतले ताचेच सरदार प्रबळ जाले आनी ताणीं आपली स्वतंत्र राजवट इ. स. दुसऱ्या शतमानांत गोंयचेर सुरू केली.[5]

सातवाहन राजवट नश्ट जाल्या उपरांत तिनशें वर्सां म्हणजे पांचव्या शतमानमेरेन गोंयचेर खंयची राजवट आशिल्ली हाचेर विद्वानांची जायतीं मतां आसात. कांय जाणांच्या मतान त्या इतिहासाची सुसंगत अशी आजुनय माहिती मेळना.[6] पूण सातवाहन राजवट नश्ट जाल्या उपरांत

ताच्याच प्रबळ जाल्ल्या मांडलिकांनी आनी सरदारांनी आपल्यो वेग–वेगळ्यो राजवटी स्थापन केल्ल्यो आसूंक जाय, हाचेर सगळ्यांचें एकमत आसा.

अशाच एका राजघराण्याची सत्ता चवथ्या शतमानांत गोंयचेर आशिल्ली अशें मानतात. ह्या विधानाक चवथ्या शतमानांतले, 'शिरोड्या' गांवांत सापडिल्ले तीन ताम्रपट आदार दितात. हे 'ताम्रपट' ब्राह्मी लिपयेंत आनी संस्कृत भाशेंत बरयल्ले आसात आनी तांतूत चंद्रपुर राजधानींतल्या गोमंत देसाचो राजा देवराज हांचे आज्ञेन (चंद्रपुराद् गोमिनां देवराजवचनात्) भारद्वाजगोत्री सुविंदस्वामी आनी इंद्रस्वामी ह्या दोन ब्राह्मणांक कांय भुमी दान दिल्याचो उल्लेख आसा.[७]

हांतलें 'चंद्रपुर' म्हळ्यार आयचो साश्टींतलो 'चांदर' गांव, हें सगळेच जाण मानतात. मात चवथ्या शतमानांत राज्य करपी हो देवराज गोमीन कोण? आनी ताणें जमनी दान दिल्ले ते भारद्वाजगोत्री सुविंदस्वामी आनी इंद्रस्वामी भट कोण? हाचेर विद्वानांमदीं वाद चलता.

कांय इतिहासकारांच्या मतान देवराज गोमीन हो भोज घराण्यांतलो चंद्रवंशीय राजा. हें भोज घराणें मुळचें पंजाबाकडचें. ह्या घराण्यांतलो एक पुरूस मौर्यांचे म्हणचे सम्राट अशोकाचे राजवटींत मुखेल प्रदेशाधिकारी आशिल्लो. मौर्य साम्राज्याच्या पडट्या काळांत भोज आपल्या प्रदेशाचे स्वतंत्र राजा जाले.[८]

देवराज गोमीनान इ. स. चवथ्या शतमानांत गोंयांत आपली स्वतंत्र राजधानी स्थापन केली आनी तिका 'चंद्रपुर' अशें नांव दवरलें. हे चंद्रपुर राजधानीचे कक्षेंत येवपी प्रदेशाक 'चंद्रवाडी' हें नांव दिलें. ह्या देवराज गोमीनाचो वारस, राजा चंद्रवर्मा हाणें, चंद्रनाथ पर्वतार चंद्रेश्वराचें देवूळ बांदलें.[९]

इतिहासकारांच्या ह्या विधानाक आमोणें गांवात मेळपी जायत्यो गजाली आदार दितात.

आमोणेच्या शेटकार (हिंदू) घराण्याच्या मुळाविशीं जी आख्यायिका आसा तांतूत राजा चंद्रवर्मा गोमिनाचा उल्लेख मेळटा. तशेंच खूब पूर्विल्ल्या काळारसाकून गांवात स्थायीक जावन आशिल्ले एक भारव्दाजगोत्री भटांचें घराणें आयज आमोण्यांत आसा. ह्या घराण्याक पूर्विल्ल्या राजा–महाराजांकडल्यान जायत्यो जमनी दानाक मेळिल्ल्यो आसात. वयर सांगिल्ले सुविंदस्वामी आनी इंद्रस्वामी भट हे ह्या घराण्याचे पूर्वज आसपाची शक्यता आसा.

भोजांनी स्थापन केल्ली चंद्रवाडी बावीस गांवांची आशिल्ली[१०] त्या गांवांची नांवां अशीं :

अवेडें	कोठंबी	मळकर्णे
असोळडें	चायफी	मुळें
आमोणें	चिकशेळवण	शिरवय
आमोलें	ज्ञानोडें	शेळडें
उदर्न	तळवडें	शेळवण
कुसमण	नागवें	होडार
कुडचडें	पाड्डें	
केपें	भिण्णें	

ह्या बावीस गांवांमदलो, आमोणें गांव हो चंद्रवाडीचो म्हत्व गांव आशिल्ल्यान चंद्रवाडीचेर ज्यो ज्यो राजवटी आयल्यो, त्यो त्यो आमोणेचेरूय शेक गाजोवन गेल्यो हें वेगळें सांगपाची गरज ना.

परदेसी भोंवडेकारांनी चंद्रपूराचो उल्लेख 'सिन्दबूर' अशो केला. सिन्दबूर हें चंद्रपुर उतराचें आरबी रूप.[११]

गोंयांत बौध्द धर्माचो प्रचार करपी आनी सगळ्यांत पयलो गोंयाभायर वचपी गोंयकार 'पुण्ण' (पूर्ण) हाणें पांचव्या शतमानांत, वेपाराच्या निमतान अयोध्येलागशिल्ल्या श्रावस्ती नांवाच्या गांवांत गेल्लेकडेन बुध्दाचे शिकवणेन प्रेरीत जावन बौध्द धर्माची दिक्षा घेतली. हो पुण्ण आताच्या साश्टी तालूक्यांतल्या, म्हणजे पूर्विल्ल्या चंद्रवाडी म्हालांतल्या 'मुळें' गांवचो. बौध्दधर्माची दिक्षा घेवन घरा येतकच ताणें थंय एक 'विहार' बांधलो आनी बुध्दाक आपोवन हाडून ताका तो दिलो. तो विहार रक्तचंदन रूखाच्या कव्यांपासून बांदिल्लो आशिल्ल्यान ताका 'चंदन मंडल' हें नांव पडलें. ह्या चंदन–मंडलाविशीं अशें सांगतात की, पुण्णाचो धाकटो भाव वांगडच्या तिनशीं वेपाऱ्यांक घेवन तारवार चडून पयसुल्ले भोंवडेक गेल्लो, थंय वाटेर भयाकृत मोड जावन ताचें तारूं एका जुंव्याक लागलें. तो सगळो जुंवो मोलादीक रक्त चंदनाच्या रूखांनी भरिल्लो. वेपाऱ्यांनी तांतूतलें लाकूड कापून हाडून आपल्या तारवाची भरताड केली आनी ते आपल्या गांवाक वचूंक भायर सरले. पूण ताकां भायर घालतकच परतून भयांकृत मोड जालें, तेवेळार तांडेलांनी आप-आपल्या देवाक उलो मारलो आनी पुण्णाच्या भावान, पुण्णाचो धांवो केलो. पुण्ण ताका पावलो आनी दर्यो रोकडोच थंड जावन तांचें तारूं सुसंगीत तांच्या मुलखाचे तडीक लागलें. पुण्णाच्या उपकारान भारावन वेपाऱ्यांनी ताका रक्तचंदनाचे कांय कर्वे दिवंक काडले, पूण पुण्णान ते घेनासतना त्या रक्तचंदनाचो बुध्दाखातीर एक विहार बांदूक सांगलो आनी ताणीं तो बांदलो. उपरांत पुण्णान, बुध्दाक सुनापरान्तकांत (गोंयांत) येवपाक आमंत्रण दिलें बुध्दान तें मान्य केलें. दक्षिणेंतली ताची ही तिसरी भोंवडी आशिल्ली. पुण्णाच्या आमंत्रणाक मान दिवन बुध्द भांगराचे पालखेंत बसून ५०० भिक्खूंसयत, सुनापरान्तकांतल्या मुलू आरामांत बांदिल्ल्या चंदन–मंडल नांवाच्या विहारांत आयलो. थंय तो जायते दीस उरलो आनी ताणें लोकांक धर्माचो उपदेश केलो[१२] अशी माहिनी मेळटा.

चंदन मंडल हें मुळचें विहाराचें नांव उपरांत पुराय म्हालाकच फावो जालें. काळांतरान चंदन मंडल हें उतर घोळणुकेंत येवन ताचें 'चंदमंडल' जालें आनी संस्कृत बरप्यांनी ताका 'चंद्रमंडळ' अशें रूप दिवन, गोंयच्या कानडी कंदब राजांच्या शेकातळा, म्हणजे सुमार इकराव्या शेकड्यांत ताका 'चंद्रवाडी' हें नांव मेळळें जावये असोय एक विचार उक्तायतात. कानडी बरपांनी 'वाडी' हें उतर मोटो म्हाल नाजाल्यार जिल्हो असो अर्थ दाखयतात. क्रिस्ताच्या णवव्या, धाव्या आनी इकराव्या शेंकड्यांत आताच्या साश्टी म्हालांतलें 'चांदर' हें चंद्रवाडीतलें मुखेल शार आसून ताका 'चंद्रपुर' अशें म्हण्टाले. गोंयच्या शिलाहारांच्या शके ९३० च्या (क्रि.स. १००८) एका तांब्या पट्यांत चंद्रपुर आनी चंद्रमंडळ हीं दोनय उतरां आयल्यांत. तांतूत तिसरो शिलाहार राजा ऐयपराज हो 'चांदर लागसार नाल्लाचें उदक न्हालो' म्हणजे ताणें आपल्या दुस्मानांचेर जैत जोडलें अशें म्हळां. तशेंच आटवो शिलाहार राजा भीम हाणें 'राहून चंद्राक गिळिल्ल्याभाशेन चंद्रमंडळ गिळ्ळें' म्हणजे जिखलें अशें म्हळा.[१३]

चवथ्या शतमानांत गोंयचेर भोजांची राजवट आशिल्ली अशे धरून चल्लें जाल्यार पांचव्या शतमानांत 'वनवासी' कदंबांची सत्ता आयली. हें घराणें, कदंबाच्या तीन घराण्यांपैकी सगळ्यांत पोन्नें घराणें. तें कर्नाटकांतल्या 'वैजयंती' वा 'वनवासी' हांगाचें. कदंबांची हेर दोन घराणीं 'हनगल' आनी 'गोंय' हांगाचीं.[१४]

इ. स. सव्या शतमानांत कदंबांच्याच चालुक्यवंशी सरदारान 'बदामी' हांगां आपली स्वतंत्र राजधानी स्थापना केली. उपरांत कदंबांचो पराभव करून ताणें गोंयचेर आपली राजवट हाडली. इ. स. ७५३ मेरेन गोंयचेर चालुक्यांचें राज्य आशिल्लें. त्याच वर्सा दंतिदुर्ग ह्या राष्ट्रकुट राजान चालुक्य राजा दुसरो किर्तिवर्मा हांचो पराभव करून राष्ट्रकुट राजवटीचो आरंभ केलो.[१५]

इ. स. धाव्या शतमानाचे अखेरेक राष्ट्रकुटांचे मांडलीक म्हण शिलाहारांनी आपली सत्ता गोंयचेर सुरू केली. हे शिलाहार मूळ गोंयचे. ह्याच शिलाहारांच्या काळांत गोंयच्या कदंबांक राष्ट्रकुटांचें मांडलीकत्व केळलें.विक्रमादित्य चालुक्यान जरी वनवासी कदंबांचें सामाज्र नश्ट केल्लें तरी कदंबवंशाचो पुराय नाश जावंक नासलो. गोंयांत चंद्रपुर हांगा तांचें एक ल्हानशेंच संस्थान आशिल्लें.[१६]

इ. स. च्या इकराव्या शतमानाचे सुरवातेमेरेन गोंयांत शिलाहारांची माहिती मेळटा. त्यानंतर गोंयचेर गोंयच्या कदंबांचें राज्य सुरू जालें. दुसरो गुहल्लदेव कदंब हाणें गोंयांत परतून कदंब राजवंशाची स्थापना केली. ह्या कदंबांचो काळ हो गोंयचे भरभराटीचो काळ. ह्या राजवंशांतल्या पयल्या जयकेशीन (इ. स. १०५०–८०) चंद्रपुरच्यान आपली राजधानी गोपकपट्टाणांत (आयचें तिसवाडी तालुक्यांतलें व्हडलें गोंय) व्हेली. त्या काळांत ताणें त्या शाराची खुबच भरभराट केली.[१७].

ह्या वंशांत फुडें जायते पराक्रमी राजा जावन गेले. इ. स. १२१२ वर्सा यादव राजांनी कदंबांक जिखून तांकां आपले मांडलीक केले. कदंबांची गोपकपट्टणांतली राजधानी ताणीं ह्या वेळार नश्ट केली. देखून कदंब राजा कामदेव हाणें आपली राजधानी परत चंद्रपुरांत व्हेली असो उल्लेख मेळटा.[१८]

यादवांनी गोंयचेर एकशें एक वर्सां राज्य केलें. इ. स. १३१८–१९ वर्सां देवगिरीच्या यादवांचें राज्य दिल्लीच्या मुसलमानांनी घेतलें, ताणीं यादवांची गोंयवयलीय सत्ता नश्ट केली. गोंयात आशिल्लो कदंब वंशय पुराय ना केलो.[१९]

त्यावेळार मुबारक खिलजी हो दिल्लीच्या शिंवासनार आशिल्लो. गोंयचेर आयिल्ली ही पयली मुसलमान राजवट. महमंद तुघलक हो इ. स. १३२५ वर्सा दिल्लीपती जालो. ताणें दक्षिणेचो कारभार पळोवपाखातीर आपलो सरदार हसन गंगू जाफरखान हाची नेमणूक केली. पूण हसन गंगून स्वताच राजा जावपाचें चिंतून १३४७ वर्सा दौलताबाद हांगा बहामनी राज्याची स्थापना केली. इ. स. १३५८ वर्सा हसन गंगू मेलो आनी ताचो पूत गाजी महमंद राजा जालो. ह्या गाजी महमंदान गोंयच्या हिंदूक खुबच पिडापीडा केली. मुसलमान राजवटीचो हो काळ म्हणजे बेबंदशाहिचो काळ[२०]

इ. स. च्या १३६६ वर्सा विजयनगराच्या माधवमंत्र्यान गोंयचेर स्वारी केली आनी गाजी

महंमदाकडल्यान गोंय आपल्या ताब्यांत घेतलें. सुमार पंचवीस वर्सां गोंयचेर आशिल्ल्या विजयनगरच्या हे राजवटींत गोंयच्या हिंदूक खूब राखण मेळ्ळी. मुसलमानांनी नश्ट केल्लें सप्तकोटेश्वराचें देऊळ माधवमंत्र्यान परतें बांदलें.[२१].

'हक्क' आनी 'बुक्क' हे दोन यादववंशी भाव विजयनगर राज्याचे संस्थापक. आशिल्ले हक्क म्हळ्यार 'राया हरिहर'. हक्क वा हरिहर हो व्हडलो भाव आशिल्ल्यान तो १८ एप्रील १३३६ ह्या दिसा विधीपूर्वक राज्याभिशेक करून घेवन राजा जालो. ह्या हरिहररायाक भुरगें नाशिल्ल्यान ताणें आपलो भाव 'बुक्क' हाकाच पोसको घेतलो. त्यावेळार गोंय बहामनी सत्तेच्या प्रभावाखाला आशिल्लें. बुक्करायान गोंय घेवपाची वा विजयनगर राजवटीखाला हाडपाची जबाबदारी आपले प्रधान 'माधवमंत्री' म्हळ्यार 'मल्लप्पा ओडीयर' हांचेकडेन सोंपयल्ली[२२].

इ. स. १४६९ वर्सा बहामनी राज्याचो महमूद गवान ह्या सरदारान गोंयचेर स्वारी करून विजयनगर राजाकडल्यान गोंय परतें घेतलें[२३].

अशेतरेन गोंयचेर दुसरे फावट बहामनी राज्याची सत्ता आयली. बहामनी राज्याचे फुडें दोन भाग जाले. ताचो एक सरदार युसूफ आदिलशाहा हाणें विजापुरांत स्वतंत्र राज्याची स्थापना केली. त्यावेळार गोंयांत दुसऱ्या एका बहामनी सुभेदाराची सत्ता चलताली. उपरांत विजापुरच्या बहामनी सरदारान (युसुफ आदिलशहान) गोंयच्या बहामनी सुभेदाराक आपली अधिसत्ता मान्य करपाक लायली. अशे तरेन इ. स. १४८९ वर्सा गोंयचो अदिलशाहींत आस्पाव जालो[२४].

१७ फेब्रुवारी १५१० ह्या दिसा पोर्तुगेज सरदार आफोंस द आल्बुकेर्क हाणें विजयनगरच्या सरदार तिमोजा वा तिमय्या हाच्या आदारान गोंयचेर दर्यावाटेन धुरी घाली आनी कडलेंय झूज जायनासना गोंय शार (जुवें) आल्बुकेर्कच्या हातांत पडलें. मुसलमानांच्या राजवटींतल्यान गोंय सोडोवंचें आनी विजयनगराच्या हिंदू राज्याक जोडचें ह्या हेतून तिमोजान, आल्बुकेर्काक गोंयचेर स्वारी करपाची कल्पना दिल्ली अशें म्हण्टात. पोर्तुगेज हे वेपारी आशिल्ल्यान आपल्या कामाचो योग्य मोबदलो घेवन कडेक सरतले अशें ताका दिशिल्लें, पूण पोर्तुगेजांनी तिमोजाच्या तोंडाक पानां पुसलीं अशीय माहिती मेळटा[२५]

पोर्तुगेजांनी गोंय जुवें घेतलें तरी विजापुरकारांनी तांकां थोड्याच दिसांनी थंयच्यान धांवडायले. पूण २५ नोव्हेंबर १५१० ह्या दिसा पोर्तुगेजांनी तें जुवें परतें आपल्या ताब्यांत घेतलें.[२६]

इ. स. १५४३ त बारदेस आनी साश्ट हे दोन तालुके ताका जोडले.[२७] हे तीन तालुके म्हळ्यार पोरनी काबीजाद. हे पोरने काबिजादींत पोर्तुगेजांनी चड अत्याचार केले.

इ. स. १६७४ मेरेन फोंडेचो मर्दनगड आनी ताचे कक्षेंत आसपी जांबवली पंचम्हाल विजापुरकारांकडेन आशिल्लो इ. स. १६७५ वर्सा शिवाजी भोसल्यान फोंडेचो मर्दनगड विजापुरकारांकडल्यान घेतलो.[२८]

इ. स. १६८० नंतर कारवार किल्ल्यासयत दक्षिण गोमंतक तसोच दक्षिण कोंकण आनी उत्तर कानडा मराठ्यांकडेन आयलो. त्या उपरांत ताणीं भटकळ ते अऊर्शे न्हंयमेरेनचो मुलूख घेवन कारवार किल्ल्यासयत तो सोंदेकार राजा सदाशिव राजेंद्र वडेर हांच्या ताब्यांत दिलो[२९].

सोंदेकार राजा हे मुळाक विजयनगर साम्राज्याचे सरदार आनी जागीरदार. ते कर्नाटकांतल्या सोंदे (सुंदरपुर) ह्या गांवचे आशिल्ल्यान तांकां 'सोंदेकार' हें नाव पडलें. शिर्सी हें तांचे जागीरीचें मध्यनगर. तांचो राजनिवास शिर्सीच्या सुंदरपुर गांवांत एकातेंपार आशिल्लो. राजा इमोडी आरसप्पा वडेर हाणीं इ. स. १५५५ वर्सा सोंदेकार शिंवासनाची स्थापना केली.[३०]

विजनगराच्या काळापासून आस्तित्वांत आशिल्ल्या ह्या संस्थानाची सत्ता दक्षिण किनाऱ्यावयल्या मंगळूर, भटकळ वा शिवेश्वर महाल तशेंच बाळ्ळी, चंद्रवाडी, काकोडें, हेमाडबारशें, अष्टग्रहार आनी फोंडें ह्या महालांचेर चलताली. विजयनगर नंतर विजापुरकारांची अधिसत्ता ताचेर चालू उरली. उपरांत शिवाजीन विजापुरकारांकाडल्यान जिखिल्लो कांय भाग राज्यवेवस्थेखातीर तांचेच सुवादीन केलो. तिसवाडी वा साश्ट ह्या प्रदेशाक लागुनच, सोंदेकारांचो प्रदेश आशिल्ल्यान पोर्तुगेजांच्यो तांचेकडेन अदींमदीं लटाफटी जाताल्यो. इ. स. १७४१ वर्सा पोर्तुगेजांची नदर चंद्रवाडीचेर गेली. सोंदेकारांचे सत्तेखाला आशिल्ले पाड्डें, मुळें, आनी तलवडें हे तीन गांव ताणें मागले. सोंदेकारान न्हयकार दिताच, पोर्तुगेजान रागान ताच्या शिवेश्वर महालांतल्या सदाशिवगडाचेर तिनदां 'नावीक' हल्ले करुन तो ताब्यांत घेतलो, तेन्ना गडाचे राखणेखातीर कबलांत करुन ते तिनय गांव सोंदेकारान पोर्तुगेजांक दिले. ह्या वेळार सोंदेकाराकडेन चंद्रवाडीचे फकत १९ गांव उरले.[३१] पूण हें देणें–घेणें फकत शासकीय स्वरुपाचें आशिल्लें. गांवच्या पारंपारीक चाली–रितींचेर ताचो कांयच असर पडलोना.

ह्याच काळांत मराठ्यांचें म्हैसुरच्या हैदरअल्लीकडेन युध्द सुरु जालें. त्यावेळार हैदरअल्लीन मराठ्याचे मांडलीक सोंदेकार हांचो बरोच मुलूख घेतलो. सोंदेकाराक ह्या वेळार मदत करप, उत्तर हिंदुस्थानांतल्या कारस्थानांक लागून मराठ्यांक शक्य जालेंना. सोंदेकारान आपले राजधानीचेर हैदरचो हल्लो जातलो ह्या भयान पोर्तुगेजांची मदत मागली तेन्ना पोर्तुगेजान जांबावले पंचमहाल आनी पाळेंमेरेनचो भाग, साठहजार आसर्फ्यो दर वर्सा दिवपाच्या करारान, आपल्या सुवादीन करुन घेतलो आनी त्या भागांत आपलें सैन धाडलें. ताकालागून हैदरअल्लीन रागान इ. स. १७५६ वर्सा सोंदेकाराच्या उरिल्ल्या राज्याचेर हल्लो करुन तो आपले सत्तेखाला हाडलो. त्यावेळार सोंदेकारांची राजधानीय हैदरच्या हातांत गेल्ल्यान ताका आपल्या घरच्यासयत गोंयांत पोर्तुगेजांच्या ताब्यांत आशिल्ल्या आपल्या मुलखांत येवन रावचें पडलें. कांय काळान जेन्ना हैदर अल्लीचो पूत टिपू सुलतान हांचो मराठे, इंग्रज आनी निजाम हाणीं मेळून पराभव केलो आनी सगळें थंडायेर पडलें, तेन्ना सोंदेकारान गोंयांतले आपले प्रदेश पोर्तुगेजांकडेन परते मागले. पोर्तुगेजांक ते परते दिवपाचे नासले देखून सोंदेकाराक बरोच काळ झुलयत दवरुन शेवटाक इ. स. १७९१ वर्सा पोर्तुगेजांनी राजा सवाई बसवसिंग हांचेकडेन कबलांत करुन वीस हजार असर्फ्यांच्या खंडान अंत्रूज महाल, हेमाड बारशें, अष्टग्रहार, काकोडें आनी बाळ्ळीसयत, चंद्रवाडी आनी काणकोण हे महाल आपल्या राज्याक जोडले.[३२]

अशेतरेन चंद्रवाडी महालांत आशिल्ल्या आमोणें गांवचेर पोर्तुगेजांची सत्ता आयली.

चंद्रवाडी महाल आपल्या ताब्यांत आयल्या उपरांत पोर्तुगेजांनी त्या महालाक, 'कोंसेल्यु–द–केपें' हें नांव दिवन ताका कांय भायले गांव जोडून आनी कांय भितल्ले गांव कडेक काडून ताच्यो शिमो बदल्ल्यो

पोर्तुगेज काळावयल्या कोंसेल्यु [illegible] वांगडाच फुडल्या प्रमाण [illegible][३३]

मुखेल भाग		कक्षेंत येवपी गांव
आमोणें	–	आमोणें आनी शिरदोण
आरली	–	आरली, दावं, नाकेरी, किटल आनी [illegible]
असोळडें	–	असोळडें
अवेडें	–	अवेडें
बाळ्ळी	–	बाळ्ळी, अडणें, बेनोडें, कोडणें, [illegible] आनी [illegible].
बारशें	–	बारशें, पाडी, खेडें, भेतुलें.
काकोडें	–	काकोडें (चिरकोडी, घोटमरड, धोड्यामोड, मोड, आनी [illegible])
कोठंबी	–	कोठंबी आनी चायफी
कुसमण	–	कुसमण
कुडचडें	–	कुडचडें
मायणा–सुळकर्ण	–	काव्रें, कर्ल, काजूर, गोकोळडें, मायणा, मानगाळ, [illegible], किसकर्ण आनी सुळकर्ण.
मळकर्ण	–	मोलकोपर्ण, मळकर्णे, नागवें, उदर्न आनी [illegible].
होडार	–	चिक–शेळवण, होडार आनी शेळवण
केपें	–	आमोलें आनी केपें
शेळडें	–	शेळडें

सोंदेकार राजान आमोणें गांव चंद्रेश्वर देवस्थानाक 'मोकामो' (Merces) दिल्ल्याची एक आख्यायिका मेळटा. ही आख्यायिका कितकी खरी हें सांगूक नज पूण सरकारी दरबारांत मात ह्या मोकाशाची नोंद आसा.[३४]

ह्या मोकाशाविशीची आख्यायिका अशी:

सोंदेकार राजाचो एक वारस त्या वेळार आमोणें गांवांतल्या आपल्या कॉटांत रावतालो. तो शिस्तीक मोठो कडक आशिल्लो. त्यावेळार पर्वतार नित्याची पुजा गुरव करतालो, जाल्यार सोमार–पर्वणेची भट करतालो. नित्याची पुजा आसूं नाजाल्यार पर्वणेची, पुजा करून गांवांत भितर सरतना सोंदेकारागेर वचून राजाक प्रसाद दिवपाची चाल आशिल्ली.

एका दिसा गुरवान दिल्ल्या प्रसादांत राजाक एक केंस मेळ्ळो. तेन्ना राजा संतापलो. देवाक केंस आसात काय म्हण विचारूंक लागलो. गुरवाक कितें सांगचें, तेंच समजना जालें. भयान ताच्या तोंडांतल्यान 'हय' अशें उतर भायर सरलें. ताचेर राजान सांगलें, ''तशें जाल्यार देवाक केंस आसात काय तें पळोवपाक हांव पर्वतार येता ! जर देवाक केंस दिसलेंनात जाल्यार तुजी तकलीच उडयतां !'' राजाली उतरां आयकून गुरवाचेर सामको आकांत आयलो ताणें राजाकडेन सात दिसांचो वेळ मागून घेतलो.

त्या दिसाच्यान स दीस मेरेन गुरव अन्न–उदक घेनासतना देवाचें ध्यान करीत बसलो. सव्या राती देवान गुरवाक दर्शन दिलें आनी कांयच भियेनाका म्हण सांगलें. तशेंच आपल्या मुकार एका फाटल्यान एक अशें 'सात धवे पड्डे' बांदून, ते राजा आयलो तशे एक एक करून उगडपाक सांगले.

गुरवान देवान सांगिल्लें तशेंच केलें. दुसऱ्या दिसा जेन्ना राजा देवळांत आयलो, तशें गुरवान देवाचें नांव घेतलें आनी एक एक करून पड्डे उगडूंक सुरवात केली.

पयलो पड्डो उगडटाच राजाक हय–न्हयशें, सावळेभाशेन कितेंतरी झळकलें. दुसरो पड्डो उगडटकच ती सावळी चडच स्पश्ट जाली. तिसरो—— चवथो——— पांचवो पड्डो उगडटाच, राजान पळयलें, पड्ड्याच्या दोनय कडेच्यान केंसच केंस जमनीर लोळण घेतात. सगळेकडेन केंसच केंस ! दोन पड्ड्यांतल्यान अस्पश्ट अशें दिसतलें देवाचें रुद्र विराट रूप पळोवन राजाच्यो दांत–खिळयो अंदल्ल्यो. आता पांचव्या पडद्यांतल्यान दिसतली आकृती पळोवन ताका घडघडीत घाम फुटलो आनी तो घुंवळ येवन सकयल पडलो.

शाबुद्देर येतकच राजान आपल्या उर्मटपणाची देवाकडेन चूक मागली आनी आपल्या अधिकाराचो एक गांव देवाक 'मोकास' दिलो.

सोंदेकारान मोकासो म्हण खरो तर दिवचल तालुक्यांतलो आमोणें गांव दिल्लो. पूण तो गांव चंद्रेश्वर देवस्थानाकडल्यान खूब पयस आशिल्ल्यान, ते बदला मागीर ताणें केपें तालुक्यांतलो (चंद्रवाडींतलो) आमोणें गांव दिलो अशें सांगतात.

अशे तरेन आमोणें गांवचें उत्पन सोंदेकार राजाच्या खजिन्यांत एकठांय जावंचे बदला, चंद्रेश्वर देवस्थानाचे तिजोरेंत वचपाक लागलें.

१९ डिसेंबर १९६१ दिसा गोंय पोर्तुगेज राजवटींतल्यान मुक्त जालें. मुक्त गोंय संघप्रदेशाचो एक घटक म्हण त्या दिसाच्यान आमोणें गांवानय गोंयचे उदरगतींत वांटो घेतलो.

३० मे १९८७ ह्या दिसा गोंयाक घटक राज्याचो दर्जो मेळ्ळो. आमोणें गांवानय ताची खोस मनयली.

टीप :

प्रकरण : २ (अ)

१– उत्तर कोंकणचा प्राचीन इतिहास, पृ. ४७, ४८ पु. बा. जोशी Cit, आजचा व कालचा गोमंतक, पृ. १४,१५.

२– उत्तर कोंकणचा प्राचीन इतिहास, पृ. ४७,४८ : पु. बा. जोशी,Cit, आजचा व कालचा गोमंतक, पृ. १४,१५.

३– कांहीं मराठी लेखः शणै गोंयबाब, पृ. १६९ Cit, आजचा व कालचा गोमंतक, पृ. १५.

४– गोंयकारांची गोंयाभायली वसणूक : शणै वा. र. वर्दे वालावलकार, पृ. १९.

५– भारतीय संस्कृतिकोश, खंड–३, पृ. १५४.

६– आजचा व कालचा गोमंतक, पृ. १७.
७– Goa Ha 1500 Anos - Por P.S. Pissurlencar, Cit. आजचा व कालचा गोमंतक, पृ. १७
८– गौरव ग्रंथ : श्री संस्थान चंद्रेश्वर, भूतनाथ, पारोडे पृ. ३७,३८.
९– गौरव ग्रंथ : श्री संस्थान चंद्रेश्वर भूतनाथ, पारोडे, पृ. ३७, ३८.
१०– गौरव ग्रंथ : श्री संस्थान चंद्रेश्वर भूतनाथ, पारोडे, पृ.५
११ – गोंयकारांची गोंयाभायली वसणूक पृ. ८५
१२ – गोंयकारांची गोंयाभायली वसणूक, पृ. ९,१०,११.
१३ – गोंयकारांची गोंयाभायली वसणूक पृ. ८५, ८६, ८७.
१४ – आजचा व कालचा गोमंतक, पृ. १७
१५ – भारतीय संस्कृतिकोश, खंड–३, पृ. १५५.
१६ – Kadamba kula : Prof G. Moraes 168.
१७ – भारतीय संस्कृतिकोश, खंड–३ पृ. १५५
१८ – भारतीय संस्कृतिकोश, खंड–३, पृ. १५५
१९ – भारतीय संस्कृतिकोश, खंड–३, पृ. १५५
२० – आजचा व कालचा गोमंतक, पृ. २८.
२१ – भारतीय संस्कृतिकोश, खंड–३, पृ. १५५.
२२ – गोमंतक प्रकृती आनी संस्कृती, खंड–२, पृ. ३०७.
२३ – भारतीय संस्कृतिकोश, खंड–३, पृ. १५५, १५६.
२४ – भारतीय संस्कृतिकोश खंड–३, पृ. १५५, १५६.
२५ – भारतीय संस्कृतिकोश, खंड–३, पृ. १५६.
२६ – भारतीय संस्कृतिकोश, खंड–३, पृ. १५६.
२७ – गोंयकारांची गोंयाभायली वसणूक. पृ. १२४
२८ – भारतीय संस्कृतिकोश, खंड–३, पृ. १५७.
२९ – सोंदे राज्याचा इतिहास, लेख–ना. भा. नायक, नवप्रभा, ता. ८–१२–८८.
३० – सोंदे राज्याचा इतिहास, लेख – ना. भा. नायक, नवप्रभा, ता. ८–१२–८८.
३१ – आजचा व कालचा गोमंतक, पृ. ५८.
३२ – आजचा व कालचा गोमंतक, पृ. ५९.
३३ – Etnographia da India Portuguesa, Por A.B. De Braganca Pereira, Pg.3
३४ – दक्रेतु प्राव्हिंसियाल, तं १४४, ता.२२ ऑक्टोबर १८९६, तक्ता नं. ३, Cit. गौरव ग्रंथ : श्री संस्थान चंद्रेश्वर भूतनाथ, पारोडें, पृ. ७२.

आ. वसणूक आनी जाती

आमोणें गांवची वसणूक केन्ना जाली ताचो निश्चित काळ जरी मेळना तरी पूण उपलब्ध

माहितीवयल्यान गांवची वसणूक चवथ्या शतमानापयली जाल्ली असोच निश्कर्श कांडचो पडटा.

चवथ्या शतमानांत चंद्रवाडीचेर भोजांची राजवट आशिल्ली हाची माहिती फाटीं आयल्याच. ह्या चंद्रवाडी राज्याचो आमोणें हो म्हाल गांव. चवथ्या शतमानांत जेन्ना चंद्रवाडी राज्याची स्थापना जाली तेन्ना आमोणें गांवांत लोकवस्ती आशिल्ली. दुसरी गजाल म्हणजे आमोणेच्या शेटकार घराण्याचे एके आख्यायिकेंत दुसरो भोजराजा चंद्रवर्मा आनी आमोणें गांवांत रावपी ताच्या कुळकर्ण्याचो उल्लेख मेळटा. हाचेवेल्यान चवथ्या शतमानांत आमोणें गांवांत कुळकर्णी आशिल्ले हें मानचें पडटा. आमोणेचे हिंदू गावडी जमातीचें लोक हे गांवचे वसाहतकार अशें मानतात. जर ते गांवचे वसाहतकार आनी जर तांणी गांवची वसणूक केल्ली तर निश्चितपणान ते गांवांत कुळकर्ण्यापयलीं आयिल्ले आसूंक जाय. शिवाय गांवांतल्या घरांची मांडणी आनी हेर पारंपारिक गजालींचो अभ्यास केल्यार कुळकर्ण्यापयलीं गांवांत गावडी जमातीचें घराणें आयिल्लें हें सिध्द जाता.

चवथ्या शतमानांत, भोजांनी चंद्रवाडी राज्याची स्थापना करून राज्याचें 'कुळकर्ण' सांबाळपाखातीर एका कुळकर्ण्याची नेमणूक केली आनी ताका रावपाक जागो दिलो, अशी जी माहिती मेळटा तिचो आदार धरलो जाल्यार, कुळकर्ण्यापयलीं गावडी जमातीच्या घराण्यान केन्ना तरी आमोणें गांव वसयलो आसूंक जाय.

गांव वसोवचे पयलीं त्या जाग्यार सगळयाक अटंग्य रान आशिल्लें. त्या रानांत कोले–भालू, वाग–वागटां, सोरोप–मुंगसां ह्या सारकीं हिंस्त्र सावदां आपलो शेक गाजयतालीं अशी माहिती मेळटा.

आमोणें गांवांत वस्ती करून रावपी वेग–वेगळ्या जाती धर्माच्या लोकां विशीं थोडे भितर माहिती अशी :

गांवांत हिंदू आनी किरिस्तांव अशे दोन धर्माचे लोक रावतात. तशेंच 'हिंदू गावडी' आनी 'किरिस्तांव गावडी' अश्यो दोन जमाती आसात. आमोणें गांवचें देवस्पण हें 'गावडी देवस्पण' अशें मानतात. एका काळार गांवांत ह्यो दोनय जमाती आप–आपल्या धर्माच्या हेर लोकांचेर वर्चस्व गाजयताल्यो म्हणपाचें कळटा. आजय देव–देवस्पणांत तांकां चड मान मेळटा.

गांवांत सद्याक खेत्री, कलवंत, गुरव, बामण, भट, नायक, बन्ने आनी मडवळ अश्यो हिंदू जाती मेळटात.

एकातेंपार गांवांत 'तारी' घराणेंय आशिल्ल्याची माहिती मेळटा.

किरिस्तावं धर्म मानपी 'चाडडे' आनी 'सुदीर' ह्यो दोनच जाती गांवांत आसात.

गांवांतल्या जाती–धर्मा संबंदान अभ्यास करतना एक गजाल लक्षांत येता ती म्हणजे, एका तेंपार आमोण्यात तांत्रिक संस्कृतीचो शेक चलतालो. हळू हळू वैदीक संस्कृतीचो प्रभाव गांवचेर जालो. आज गांवांत दिश्टी पडटा ती तांत्रिक आनी वैदीक ह्या दोन संस्कृतीच्या समन्वयांतल्यान घडिल्ली एक तिसरीच संस्कृती.

जाती–जमातींच्या समाजीक दर्जा परस गांवांत खंयची जात केन्ना आयली त्या क्रमाप्रमाण

तांची हांगा माहिती दिवप समा जातलें.

हिंदू समाज

गावडी जमात :

गांवांत गावडी जमातीची जरी कितलींय घरां आसल्यों तरी तांचें घराणें मूळ एक. ह्या घराण्यान गांवची वसणूक केली. ह्या घराण्याक 'गांवकार' घराणें मानतात. फकत आमोणेंचेंच न्हय तर चंद्रवाडीच्या बावीस गांवच्या गांवकारपणाचो अधिकार तांचो. एका तेंपार हें घराणें 'सिनारी' आडनांव लायतालें, आज गात तें 'गांवकार' हें आडनांव वापरता.

खरें तर ह्या घराण्यांतल्या सगळयांत जाण्टया दादल्याक गांवच्या 'गांवकार' पणाचो अधिकार. ह्या घराण्यांतली सगळयांत जाण्टी बायल ही गांवची 'गांवकान्न'. पूण मूळ घराण्याचो खूब व्हडलो विस्तार जाल्यान, गांवकारपणाच्या अधिकाराक लागून भानगडी झगडीं- झूज जावची न्हय म्हण वर्साक एका घराक गांवकारपणाचो भार मांडावपाचो अधिकार वांटून दिल्या. देखून आगोण्यांत गांवकाराक 'वर्सकार' आनी गांवकान्नीक 'वर्सकान्न' अशें म्हणटात. आळीपाळीन दर घराक गांवकारपण मेळटा जाल्यान वा सगळे मूळ एकाच गांवकार घराण्याचे वंशज जाल्यान गांवांतल्या सगळ्या गावडी जमातीच्या लोकांक गांवकार म्हणपाची चाल पडल्या.

आमोणें गांवांत, गांवचें सगळें भौशीक देवस्पण गांवकारांनीच करपाचें आसता. ह्या गावडी जमातीचें मूळ 'पोरण्या नार्व्यां' आशिल्ल्यांचें सांगतात. तांचो कूळदेव 'मल्कांटेश्वर'. राजकीय आनी सामाजिक उलथा–पालथीच्या एका काळार ह्या घराण्याचो मूळ पूर्वज आपल्या बायल भुरग्यांसयत थंयच्यान पळ्ळो आनी लिपत लिपत केपें तालुक्यांतल्या ह्या आमोणे गांवांत आयलो अशें मानतात. नार्वें गांव सोडटना तो गांवचे शिमेर 'मीठ पेरून'[1] आयिल्ल्याचें सांगतात.

गावडी घराण्याचो तो पूर्वज गांवात भितर सरतना, न्हंय हुंपून आज ज्या जाग्याक 'खुंटये पाणटो' म्हण्टात थंयच्यान वयर सरलो. त्यावेळार आमोणें गांव म्हणजे एक अरण्य रान आशिल्लें. मनीस वस्ती थंय जाली नाशिल्ली. देखून असल्या रानांत आपूण सुरक्षीत उरतलो, आपल्याक दिसूंक थंय कोण पावचेनात, हें चिंतून ताणें थंय रावपाचो निश्चेव केलो असो समज आसा.

न्हंय हुंपून सगळ्यांत पयलीं तो जंय वयर सरिल्लो, थंय ताणें एक 'खुंटी' मारली आनी आपली अधिकारखूण त्या जाग्यार प्रस्थापीत केली. उपरांत गांवच्या चारूय दिकांनी चार खुंटयो मारून आपल्या अधिकाराची शीम थारायली. त्या नंतर ताणें थोडें रान कापून जागो निवळ केलो आनी आपल्याक रावपाखातीर मठी बांदली. पोटा–पाणयाचो प्रश्न सोडोवपाखातीर इल्ली इल्ली जमीन तयार करून ताणें शेतय रोवपाक सुरवात केली.

एक दीस रानांत भोंवतना, गांवच्या त्या पूर्वजाक आपल्या कुळदेवाचो म्हणजे महादेवाचो दृष्टांत जालो. ज्या जाग्यार दृश्टांत जालो थंय ताका एक लिंग दिसलें. त्या लिंगाक 'मुदेश्वर' म्हण ताणें पुजूंक सुरवात केली.

अशे तरेन गावडी घराण्याच्या त्या पूर्वजाकडल्यान आमोणें गांवची वसणूक जाली अशें सांगतात.

आयचो म्हाल– जल्म्याचो मठ हीच ह्या गावडी घराण्याची मूळ गठी.

ज्या जाग्यावयल्यान गांवचो हो पूर्वज न्हंय हुंपून गांवचे शिमेभितर सरिल्लो थंय आजुनय वर्साक एकदां शिगम्याचे परबेक, गड्यांदिसा 'मागील पुरवण' करतात. (कोंब्याचो मान दितात.)

खेत्री :

आमोण्यांत खेत्री वंशाचें एकूच घर आसा. ह्या घराण्यांतल्या पुरसाक गांवचो 'थाणगी' अशें मानतात.

'थाणगी' म्हणजे थाण्याचो अधिकारी, गांवचो राखणदार. आमोणें गांवच्या थाणग्याक चंद्रवाडीच्या बावीस गांवची लागणूक आसा.

ह्या घराण्याचे उत्पत्तेशविशीं अशें सांगातात :
गांवकाराच्या एका पुताच्या हातांतल्यान गांवची राखण करतना रक्तपात घडलो. देखून ताका जाती भायर दवरलो (त्या काळार गावडी जमातीचे लोक हातांतल्यान रक्तपात घडप म्हळ्यार भश्ट मानतले.) आनी गांवचो 'थाणगी' म्हण मान दिलो. गांवची राखण करपाचें 'खेत्री' वंशाचें मुखेलकाम तो करता आशिल्ल्यान ताका खेत्र्याची जात पडली.

आज गांवचें 'खेत्र' कापपाचें काम हें घराणें करता.

एका काळार गांवच्या गावडी जमातीच्या घराण्यांतल्यान उत्पत्ती जाली अशें मानतल्या ह्या घराण्याचे आज लग्न–संबंद हेर गांवच्या खेत्रीवंशी (देसाय) घराण्याकडेन जातात.

हें घराणें एकातेंपार 'थाणगी' आडनांव लायातलें, आज 'देसाय' आडनांव लायता.

ह्या घराण्यांतल्या पयल्या पुरसाक चंद्रवाडींतल्या बावीस गांवचो 'म्हालखेत्री' अशें मानतात. ताची स्थापना आमोणें गांवच्या म्हालखुंटयेच्या लागींच केल्ली आसा. ह्या म्हालखेत्र्याच्या फांतरार वर्साक एकदां, म्हळ्यार शिगम्याकडेन होळयेदिसा 'घराक एक' ह्या प्रमाण कोंबे मारून वर्साची 'जोगण' करतात.

ह्या खेत्री घराण्याची उत्पत्ती गांवच्या गावडी जमातीच्या घराण्यांतल्यान जाली अशी जी गांवांत माहिती मेळटा, ते माहितेक फुडल्या गजालींचो आदार मेळटा :

थाणग्याचो मठ (मूळ घर) म्हालजल्म्याच्या उजव्या हाताक, लागींच आशिल्लो. आजय त्या मठाचे अवशेश दिश्टी पडटात.

त्या काळार प्रत्येक जातीच्यो वस्त्यो वेग–वेगळ्यो वसताल्यो. एका जातीच्या घराक, दुसऱ्या जातीच्या वस्तेमदीं थारो नासतालो. त्या समाजीक अवस्थेचो अभ्यास केल्यार अशें म्हणचें पडटा की थाणग्याच्या घराण्याचो, म्हालजल्म्याच्या वंशजाकडेन रगताचो संबंद नाशिल्लो जाल्यार ताका थंय

घर कादूंक मेळयेंच नाशिल्लें. कुकड पोसपी वा खावपी मनीस [illegible]
आंगार पडल्यार गावडी जमातीचे लोक भ्रष्ट मानताले, ह्या [illegible]
जाला कीं थाणग्याचो तांच्या घराण्याकडेन संबंद नाशिल्लो [illegible]
म्हालजल्याच्या इतक्या लागीं थाणग्याक घर कादूंक मेळप [illegible].

खेत्र्याची जात पडल्या उपरांत गांवकारान आपल्या त्या [illegible]
उजव्यान घर कादूंक 'निरोप' दिलो अशें ह्या मठाविशीं गांवांत [illegible].

आमोणें गांवांत, गांवकाराच्या फाटोफाट थाणग्याक मान [illegible]
बरोबरीन गांवचे जमनीचे अधिकार थाणग्याकय बांदून आशिल्ल्याची [illegible]
'थाणग्या-कुणगो' नांवाचें एक शेत आजय आमोण्यांत आसा. [illegible]
चंद्रवाडींत जाल्ल्या राजकी बदलांक लागून थाणग्याचें महत्व कमी [illegible]
जाल्ले दुर्दशेक लागून हळू हळू तांच्या हातांतले अधिकार वचत [illegible].

थाणग्याच्या वंशाचें एकूच घर आज आमोण्यांत आसा. [illegible]
जाल्लें एक व्होवर नव्यापंचगी दिसा, तारीन व्हंये पल्लडीन [illegible]
आनी त्या घराण्याच्या विस्ताराक बाधा आयली अशें सांगतात.

ह्या घराण्याच्या पूर्वजाक आंव्डाचो राखणदार मानतात. [illegible]
वयक्तीक आनी भौशीक दोनय तरेच्या झगडयांची चवकशी 'गांवपण' [illegible]
वयक्तीक झगड्यांखातीर अशेतरेन 'गांवपण' आपोवपाची चाल बंद पडल्या, [illegible]
विशयांचेर मात अशेतरेन चवकशी जाता. आजय ह्या गांवपणाचें आयोजन [illegible]
करता. गांवच्या देवांक गाराणें घालपाच्या वेळार 'शेंसर'[1] वांटपाचें काम [illegible].

एकाकाळार पर्वतावयल्या चंद्रेश्वर देवस्थानांत उत्सवावेळार सगळो बंदोबस्त करपाची
जबाबदारी आमोणेच्या थाणग्याचेर आशिल्ल्याचें सांगतात.

कलवंत :

आमोणें गांवांत आज कलवंत जातीचे लोक रावनात पूण चंद्रनाथ पर्वतार ह्या जातीचीं जीं घराणीं आसात, तांचो संबंद आमोणें गांवाकडेन आसा. चंद्रेश्वर देवाचे चाकरेक लागून तांकां आमोण्यांत 'शेत–मरडां' आनी 'नमशी' सुटिल्ल्यो आसात.

'नार्वेकार', 'जोतकार' आनी 'पेडणेंकार' अशीं कलवंत जातीची तीन घराणीं पर्वतार आसात. हांतलें नार्वेकार घराणें बाकीच्या दोनय घराण्यांपरस चड पोरनें.

नार्वेकार घराणें :

ह्या घराण्याच्या मूळ घराचे म्हणजे 'कलवंता मठाचे' अवशेश, आजय आमोण्यांत पळोवंक

मेळटात. म्हालजल्म्याच्या (मठाच्या) दाव्या हाताक हो जागो आसा.

थाणग्याच्या घराण्यासारको ह्या नार्वेकार घराण्याचो उगम आमोणेच्या गांवकार घराण्यांतल्यान जालो अशें सांगतात. ह्या संबदी एक आख्यायिका मेळटा ती अशी :

आमोणेच्या गांवकार घराण्यांतल्या एका पुताक पर्वतार 'कामत' मारूंक गेल्लेकडेन आपल्या कुळदेव महादेवाचो दृष्टांत जावन एक लिंग दिसलें. जाका लिंग दिसलें, ताच्याच हातान देवाची स्थापना जाली अशें मानून उपरांत त्या लिंगाचे पुजेचो अधिकार ताकाच मेळळो. त्या निमतान पुजेखातीर ताची पर्वतार यो – वच सुरू जाली. पर्वतार गेल्लेकडेन आपल्याक विसाव्याखातीर म्हण ताणें थंय एक मठी बांदली आनी तो तांतूत रावंक लागलो. मठी बांदचे पयलीं ताणें थंय एक खुंटीय स्थापन केली.

कांय तेपान पर्वतावयल्या देवाची नामना जाली, चंद्रवाडी भायरय ताची किर्त पावली. ह्याच काळार आज पर्वतार रावपी हेर दोन कलवंत घराणीं कांय कारणांखातीर आपलो मूळ गांव सोडून पर्वतार पावलीं. पर्वतार रावपी गांवकारान तांकां थंय रावपाखातीर 'निरोप' दिलो. तांतल्या एका घराण्याकडेन मुखार गांवकार घराण्याचो संबंद (शारीरीक वा जेवणाचो) आयिल्ल्यान ताची जात बाटली, ताका कलवंताची जात पडली.

ज्या गांवकारान पर्वतार पयली वस्ती जल्माक घाली, तो मेल्या उपरांत 'जल्मी' वा 'जल्मीदेव' जालो. ताची स्थापना ताचेच मठ्येंत जाली. आज ते मठयेक 'जल्म्यामठ' म्हण वळखतात. एका काळार नार्वेकार घराण्याचो गणपती ह्याच जल्म्यामठांत पुजेक लायतल्याची माहिती मेळटा.

पर्वतार वस्ती केल्लो आमोणेचो गांवकार जरी पर्वतार मठी बांदून रावतालो तरी ताचे मूळ घर आनी रक्त–संबंदी आमोण्यांतच रावताले देखून जात बाटल्या उपरांत ताका घरा भायरो जरी करचो पडलो तरी गांवच्या जाण्ट्या गांवकारान ताका आपले वस्तेंतच, मूळ मठयेकुशीक म्हळयार म्हालजल्म्याच्या दाव्यान रावपाक जागो दिलो.

ताचेकडेन आशिल्लो चंद्रेश्वराचे पुजेचो अधिकार उपरांत गुरवाकडेन गेलो आनी फकत जल्मी–खुंटयेचेंच देवस्पण उरलें अशें सांगतात.

ह्या घराण्यांतल्या दादल्या मनशाक 'जल्मी' म्हणपाची चाल आसा.

फाटल्या कांय वर्सांसाकून देवस्थान कमिटी आनी सेवेकरी वर्ग हांचेमदीं चलपी वादाक लागून ह्या नार्वेकर घराण्यान करपाचें देवस्पण, असोळडें गांवचो नायक जातीचो जल्मी करता.

चंद्रेश्वरदेवाचो आनी पर्वतावयल्या जल्मीदेवाचो घट संबंद. चंद्रेश्वर देवाच्या दर एका उत्सवाची सुरवात, ह्या जल्मीदेवाच्या मठांतल्यानच जाता.

पर्वतावयल्या नार्वेकार घराण्याची उत्पत्ती, आमोणेच्या गांवकार घराण्यांतल्यान जाली म्हणपाक जायत्या गजालीचो आदार मेळटा. सगळयांत मुखेल आदार म्हणजे पर्वतावयली 'खुंटी'. नवो गांव वसयतना खुंटी मारपाची परंपरा मुळाक गावडी जमातीची. उपरांत नायक जातीन ती उखलून धरली.[४] कलवंत जातीमदीं अशी चाल आशिल्ल्याची माहिती मेळना.

पर्वतावयलें खुंटयेची स्थापना जर मुळाक कलवंत जातीन केल्ल्यान जाल्ली पुर्विल्ली तरय आमोणेचे गांवकार तिका आपल्या 'पांच खुंटयांत' आस्पावन घेवचे नाशिल्ले आनी आपल्या देवस्थाणांत तिका उलो मारचेच नाशिल्ले. जे अशीं आमोणेचे गांवकार तिका आपल्या खुंटयांत आस्पावन घेतात, ते अशीं तांचो ते खुंटयेकडेन संबंद आसूंक जाय. हिशाय तशीं पर्वतेकडेन ह्या घराण्याचो संबंद आसा.

आनीक एक गजाल म्हणजे, नार्वेकार घराण्याचो मूळ मठ म्हाळसानारायणाचो (मडकयांचो) ह्याच हाताक, लागींच आसा. हिवूय एक गजाल, गांवकार घराण्याकडेन तांचो संबंद आसूंक जाय, ह्या निश्कर्शाक आदार दिता.

चंद्रश्वर देवाच्यो घुडयो धरपाचो मान ह्या नार्वेकार घराण्याचो. खूब वर्सां आदीं ह्या नार्वेकार घराण्यांतल्या एका पुतान देवपुजेक लागपी फुलां दिवपाची जबाबदारी आपल्याचेर घेतली, देखून ताका 'फुलकार' ह्या नांवान लोक वळखूंक लागले. उपरांत ताचे वंशावळीक 'फुलकार' हेंच आडनांव पडलें. अशेतरेन फुलकार नांवाचें एक नवें घराणें पर्वतार जल्माक आयलें.

नार्वेकार घराणें सुरवातेक पर्वतार आनी आमोण्यांत अशे दोनय कडेन रावतालें. उपरांत हळू हळू ताचो आमोण्याकडलो संपर्क तुटलो.

जोतकार घराणें :

कलवंत जातीचें दुसरें घराणें जोतकाराचें. तांची कुळदेवी 'महालक्ष्मी'. हें घराणें मूळ खांडेपारच्यान आयिल्याचें सांगतात. हें घराणें येतना सरळ पर्वतारच आयलें आसूंक जाय. ह्या घराण्याचें आमोण्यांत घर आशिल्ल्याच्यो कांयच खुणो मेळनात.

पूर्वपरांगतसाकून भूतनाथाचो भार ह्याच घराण्यांत येतालो.

देवाक जोत पेटोवपाबरोबरच, देवळांत सान्न–कोयर करप, देवाच्यो दिवल्यो–आयदनां घासप, पालखेवांगडा दिवट्यो घेवन भोंवप, हिंवूय कामां जोतकाराचींच आसतालीं.

पयलीं जोतकाराक खंय देवळाचे गर्भकुडींत लेगीत वचपाचो अधिकार आशिल्लो पूण केन्नातरी ह्या घराण्याचो एक वंशज न्हायनासतना गर्भकुडींत गेलो आनी तेन्नाच्यान ताचो तो अधिकार गेलो अशें सांगतात. कांय जाणांच्या मतान हें घराणें मुळाक कलवंत जातीचें नाशिल्लें. ह्या घराण्याचो कलवंत जातीकडेन 'संबंद' आयिल्ल्यान ताका कलवंताची जात पडली आनी गर्भकुडींत वचपाची बंदी जाली.

हें जोतकार घराणें, मुळाक कलवंत जातीचेंच काय आनी दुसऱ्या खंयच्याय जाती पसून ताची उत्पत्ती जाली, हें जरी आज स्पश्ट जायना आसलें तरी ताचेर खोलायेन अभ्यास करपाची गरज आसा. कारण गोंयांत अशीं जोतकार घराणीं चड मेळनात. पर्वताशिवाय फोंडें तालुक्यांतल्या कवळें गांवांत, शांतादुर्गेच्या देवळाकडेन संबंदीत एक 'जोतकार' घराणें मेळटा. हें घराणें भट जातीचें. हाचे वयल्यान 'जोतकार' हें देवाक जोत लावपाचें काम करता आशिल्ल्यान एकाद्र्या

घराण्याक पडिल्लें नांव म्हणचें पडटा. मात ह्या जोतकाराचो देवाचे गर्भकुडींत संबंद येता अशिल्ल्यान हें काम खंयचे जातीच्या घराण्यान करपाचें, हाचेर मात निश्चीत विचार जातालो आसूंक जाय.

पर्वतावयल्या जोतकारांचो एक पूर्वज न्हायनासतना देवळाचे गर्भकुडींत गेलो आनी तेन्नाच्यान ताचो गर्भकुडींत वचपाचो अधिकार गेलो, अशी जी माहिती मेळटा ते माहितीपरस ताचो कलवंत जातीकडेन संबंद आयिल्ल्यान, ताका कलवंताची जात पडली आनी तांचो गर्भकुडींत वचपाचो अधिकर गेलो म्हणप चड खरें दिसता.

पेडणेंकार घराणें :

हें घराणें पर्वतार येतना 'कलवंत' (कलाकार) म्हुणूनच आयलें. ह्या घराण्याचो कुळपुरूस 'मुळवीर'. तांची कुळदेवी 'भगवती'. हें घराणें पेडण्यासाकून थेट पर्वतारच आयलें. जे वाटेन ह्या घराण्याचो पूर्वज पर्वताचे शिमेभितर सरिल्लो थंय आजुनय वर्साक एकदां तांचे वंशज 'मागील पुरवण' करतात

ह्या पेडणेकार घराण्याच्या मूळ घराकडेन मुळवीराची स्थापना केल्ली आसा.

पर्वतार येतकच ह्या घराण्यान चंद्रेश्वर देवस्थानांत चाकरी स्विकारली. दादले वाजंत्र्याचे काम करूंक लागले बायल–मनशां देवाचे पालखेमुखार नाच–गाणें करूंक लागलीं. हळू हळू चंद्रवाडींतल्या मानाधिकाऱ्यांगेरय लग्नकार्य वा बारसो–मुंजी वेळार वाजोवपाचें वा नाच–गाणें करपाचें आपोवणें ह्या घराण्याक येवंक लागलें. ह्या घराण्यांत जल्माक आयिल्ली श्रीमती वत्सलाबाय पर्वतकार हिका आपले गायनाचे कलेखातीर गोंय तशेंच महाराष्ट्रभर नांव आशिल्लें. श्री. खाप्रुमाम पर्वतकार हाणीं तबलें वाजोवपाचे कलेखातीर भारतभर किर्त मेळयल्ली.

एकाकाळार ह्या तिनय कलवंत जातीच्या घराण्यांतल्या धुवांक, लग्न करनासतना शेंस घालून देवाचे सेवेखातीर म्हण 'घरा' दवरतालीं. फाटल्या चाळीस वर्सांत गोंय सरकारान केल्ल्या कायद्याक लागून आनी सामाजिक परिवर्तनाक लागून ही चाल बंद पडल्या.

पेडणेकार घराण्यांतल्या दादल्यांक 'चेडे' म्हणपाची चाल आसा. एका काळार कलवंत जातीच्या ह्या घराण्याक 'गाण' ह्या आड नांवान वळखतल्याचीय माहिती मेळटा. (गाण = गावपी)

मदल्याकाळार नार्वेकार, जोतकार आनी पेडणेंकार ह्या तीन घराण्याचीं म्हण कितकींशीच घरां पर्वतार जाल्लीं, आज मात तांची वस्ती विस्कळींत जाल्या. कांय जाण पर्वतावयल्यान मुळसांत येवन रावल्यांत जाल्यार जायते जाण गोंयच्या हेर भागांनी वचून स्थायीक जाल्यांत. कलवंतांच्यो शेंस घाल्ल्यो बायलो मदल्या काळार मुंबय सारक्या शारांनीय वचून राविल्ल्यो. हांतल्या जायत्या जाणांची भुरगीं–बाळां आज थंयच स्थायीक जाल्लीं आसात.

गुरव :

ह्या घराण्याचो व्हडलोसो विस्तार जाल्लो ना. ह्या जातीचें एकूच घर सद्द्याक पर्वतार

आसा. हें घराणें मुळाक आगोणें गांवांत रावतल्याच्यो खुणो मेळटात. ह्या घराण्याची कुळदेव 'सप्तकोटेश्वर' आनी मूळ गांव 'नार्वे'. ह्या घराण्याच्या 'गुरवाची देवळी' पर्वतार आसा.

आगोणें गांवांत गुरवापरस गुर्वीणीक चड मान आशिल्लो आसूक जाय अशें गांवांत मेळिल्ले एकंदर माहितीवयल्यान म्हणचें पडटा. आज गांवांत जो कस्मली पाणटो आसा, त्या पाणट्याक एका तेंपार 'गुर्वीणी पाणटो' अशें म्हणटाले सांगतात. ह्या गुर्वीणी पाणट्याचे पडेक जी शेतां आशिल्लीं, तांतल्या कांय जमनीक 'गुर्वीणी भाट' म्हण वळखतात. ह्या गुर्वीणी भाटांत, 'गुर्वीणीचो फोंड', नांवाचो एक फोंड आशिल्ल्याची माहिती मेळटा. फाटल्या तीस वर्सांआदीं मेरेन गुर्वीणी भाटांत गुर्वीणीच्या घराचे अवशेश मेळटाल्याची गजाल सांगतात. पूण त्या वाठारांत आता माडांची लागवड केल्ल्यान ते अवशेश पुराय ना जाल्यात.

आगोणें गांवांत गुरवणीच्या नांवाकडेन संबंदीत आशिल्ल्यो अशयो वाडल्यो गजाली आसकूक मेळटात. पूण गुरवाच्या नांवाचो एकूय जागो मेळना. हाचेवयल्यान अशो निश्कर्श काडूंक येता की, आगोण्यांत पयलीं येतना, 'गुरव' येनासतना, गुर्वीण आयिल्ली आसूक जाय आनी ती गुर्वीण येतना आपल्या बरोबर आपल्या ल्हान भुरग्याक म्हणजे गुरवाक घेवन आयिल्ली आसूक जाय. देखून गुरवापरस गुरवीणीक आगोण्यांत चड मान उरलो.

गांवचे वस्तेचो अभ्यास केल्यार एक गजाल लक्षांत येता ती म्हणजे गुर्वीणीचें एकूच घर खुद्द आगोण्यांत, गांवचे वस्तेभायर अशे आशिल्लें. किरिस्तांवांचे वस्तेभायर तें जागो आशिल्लें.

चंद्रेश्वराच्या देवस्थानांत येदो व्हडलो महत्वाचो वांटो आशिल्ल्या गुरवाचें घर, गांवचे वस्तेभायर अशें एकसुरें आसपा फाटलें कारण कितें ? हाची जाप मात सद्याचे पिळगेंतल्या गांवच्यांकडल्यान मेळना.

सुरवातेच्या काळार पर्वतावयल्या दैवतांची जल्म्याच्या हातांतल्यान जावपी पुजा तेन्ना गुरवाच्या हातांत गेली तेन्ना जल्म्याच्या मठांत ताचो राबितो जालो. काळांतरान गुरवाकडली पुजा भटांकडेन गेली तशे जल्म्याच्या मठांत भट रावपाक लागले आनी गुरवान पर्वतारच वेगळें घर बांदलें.

चंद्रेश्वराचे पुजेचो अधिकार गुरवाकडल्यान पुरायतरेन वच्चेआदी थंयची पुजा गुरव आनी भट हांकां दोगांयकय थोडो तेप वांटून आशिल्ली. नित्याची पुजा गुरव करतालो जाल्यार पर्वणेची पुजा भट. उपरांत ही स्थिती सामकी बदलली. नित्याची जावं पर्वणेची, सगळी पुजा करपाचो अधिकार पुरायतरेन भटाकडेन गेलो. 'प्रसाद' लावपाचो गुरवाचो अधिकारय कांय तेप, भटाक आनी ताका दोगायकय वांटून पडलो. शंकभैरांवाक प्रसाद गुरव लावंक लागलो जाल्यार थळांत 'जल्म्याच्या मठांत' भट. कांय तेंपान गुरवाकडलो हो प्रसादाचोय अधिकार गेलो.

आज परतून चंद्रेश्वर देवस्थानांत प्रसाद लावपाचो अधिकार गुरवाक मेळ्ळा. तशेंच देवस्थान कमिटीन नवे पध्दतीन बांदिल्ल्या जल्म्याच्या मठात गुरवाक रावपाखातीर खास वेवस्था केल्ली आसा.

१९७४ वर्सा श्री. रवींद्र गुरव हे भायर पडले तेन्ना गुरवाच्या घराण्यांत अंवसराक फावो अशी कूड नाशिल्ली. श्री. रवींद्र गुरव हांचो पूत बाब मिलींद गुरव ते वेळार तीन-चार वर्सांचो आशिल्लो.

१९७४ ते १९८७ मेरेन चंद्रेश्वराचो अंवसर आयलोना. चंद्रेश्वराचो अंवसर ना म्हण तितलींय वर्सां भूतनाथाच्या भाराक होरायलोना.

१९८७ वर्सासाकून बाब मिलींद गुरव हाचेर चंद्रश्वराचो भार येवपाक सुरवात जाली.

काळभैरवाक 'गळटीं'[५] लावपाचें काम गुरवाकडेन आसा. ह्या कामाखातीर ताका 'गळटे बांदलां' नांवाचें शेत सुटिल्लें आसा.

पयलीं गुरव जेन्ना पुजेक पर्वतार वतालो तेन्ना गुरवीणी पाणटयाच्या उदकाचो एक तांबयो भरून अभिशेका खातीर व्हरतालो. आठवड्याक एकदां गुरवान चंद्रवाडीच्या दर गांवांत भोंवपाची चाल आशिल्ली. दर घराकडेन ताका 'पडगोभर' भात दिताले. ह्या भाताच्या तांदळांचो गुरवान देवाक नेवेद्य करपाचो आसतालो. पिकेर दर खळार वचून आपल्याक जाय तसो 'पडगो मारून' भात व्हरपाचो अधिकार गुरवाक आशिल्लो.

गुरव ही जात गोंया शिवाय कर्नाटक आनी महाराष्ट्रांतय मेळटा. तांचेमदीं लिंगायत, जानवें घालपी, लिंग आनी जानवें दोनय वांगडा घालपी अशे भेद मेळटात. ह्या शिवाय जैन गुरवय आसात. गुरवांमदीं कुळी आनी गोत्राय बी आसात.

पुजेखातीर नेमून दिल्ल्या शेतांचेर वा मेळपी दक्षिणेचेर, आमोण्यांकडेन संबंदीत गुरवांक जशें पोट चलोवंचें पडटा तशीच हेरकडल्या गुरवांचीय परिस्थिती आसा. कांय कडेन गुरव वाजंत्र्याचोय धंदो करतात.[६]

आपल्या मुळपुरसान शिवपुजेंत अनास्था दाखयली म्हण महादेवान रागान तांकां श्राप दिवन उंचेल्या वर्णांतल्यान सकयल्या वर्णांत घाले अशें आपले जातिविशीं कांय गुरव मानतात.

तारी :

आज आमोणें गांवात तारयाचें घराणें रावना पूण एकातेंपार तें आशिल्ल्याची माहिती मेळटा. गांवच्यो कांय पारंपारिक गजाली हे माहितीक आदार दितात. देखीक : आमोणेचो गांवकार दर वर्सा नव्यां पंचमी दिसा भटां पाणट्यार, तिळसांजचो तारीची आकृती करून सोडटा. गांवांत ज्या दिसा 'खळ' काबार करतात, त्या दिसा थंय अशीच एक तारीची आकृती करून दवरतात.

आमोणें गांव हो न्हंयचेर वशिल्लो गांव. पूर्विल्ल्या काळार जेन्ना पूल बांदपाचें तंत्र गांवच्यांक गवसलें नाशिल्लें वा पूल बांदप तांकां शक्य नाशिल्लें तेन्ना न्हंयपलतडच्या गांवांनी वचपाखातीर तारीची वेवस्था आसप, हें साहजीकच आशिल्लें.

आमोणेच्या गांवकार घराण्यांतल्याच एका पुतान ही तार चलोवपाची जबाबदारी स्विकारिल्ली अशें सांगतात. नव्यांपंचमी दिसा, थाणग्याच्या एका नव्या व्होवरासयत न्हंयेच्या हुंवारांत तार बुडली आनी तारी वांगडा तार चलोवपी तारयोय बुडलो तेन्नाच्यान तारयाच्या घराण्याचें नांव–निशाणय पुसून गेलें अशी माहिती मेळटा. तारयाचें घराणें तेन्ना नव्यानच घडिल्लें आनी ताचो विस्तार चड जाल्लो नाशिल्ल्यान, तारयो बुडून गेल्या उपरांत ताचें घराणेंय पुराय

काबार जालें अशें सांगतात.

तारयाचें घर, तारी पाणट्या धडेरच आशिल्ल्याची [illegible] अवशेष लेगीत दिश्टी पडनात. घडरी वर्सान वर्स [illegible]

आगोणें वाड्यावयल्या ह्या तारी पाणट्यार तार केन्ना बुडली हें [illegible] वेळार थाणग्याचें घराणें गांवांत आशिल्लें ही गजाल निश्चित. [illegible] दुसरी तार कोणें सोडलीना.


बामण :

आगोणें गांवांत बागणाचें एकच घराणें आसा. ह्या घराण्याचो [illegible] जाल्लो दिश्टी पडटा. आगोण्यांतल्या मूळ घराण्यापासून जायलीं नवीं [illegible] आनी तीं आगोण्याशिवाय चंद्रवाडींत हेर गांवांनी आनी चंद्रवाडी [illegible] तांतल्या कांय घराण्यांक तर आपल्या मूळ घराची वा गांवाचीय आज [illegible]

ह्या घराण्याचें मूळ आडनांव 'रेगे'. तांची कुळदेवी शांतादुर्गा (कवळे). [illegible] भोजराजा देवराज गोमीन हांणीं चंद्रवाडी राज्याची स्थापना करून ताचे कुळकर्णी [illegible] ह्या घराण्याच्या पूर्वजाक आगोण्यांत हाडून दवरिल्ल्याचें सांगतात.

ह्या घराण्याच्या विस्ताराची कथा अशी :

आमोणें गांवच्या म्हाल कुळकर्ण्याक खंय तीग पूत जाले. त्या [illegible] तीन तीन पूत जल्माक आयले. व्हड जातकच आज्यान आपल्या णवूय नातवांक चंद्रवाडीचें 'कुळकर्ण' वाटून दिलें. मुखार तांच्या कुळकर्णाच्या गांवाच्या नांवामुखार 'कार' प्रत्यय लावन लोक तांकां वळखूंक लागले. मागीर तेंच तांचें आडनांव जालें. देखीक : शिरवय + कार = शिरवयकार. [illegible] एका नातवाचें आडनांव मात 'रेगे' हेंच उरलें. फुडें आमोणेचे हे नातू आपल्या कुळकर्णाच्या गांवांनी स्थायीक जाले आनी तांचो आमोणें गांवाकडलो संपर्क हळू हळू तुटलो.
कुळकर्णी घराण्याच्या विस्ताराचो तकटो असो:



आज गोंयांत जळीं–मळीं पातळिल्लीं वयर दिल्या आडनांवांचीं कुळकर्णी घराण्याचीं कुटुंबां हीं मूळ आमोणें गांवचीच अशें मानतात.

आमोणेच्या कुळकर्णी घराण्याक राजाच्या दरबारांत 'नाडकर्णी' म्हण मान आशिल्लो.

राजेशाही वेळावयल्या नाडकर्णी–कुळकर्ण्याक आज लोकशाय पध्दतीन चलपी सरकारी दरबारांत कांयच काम ना. तांचे पूर्विल्ले अधिकार आज नश्ट जाल्यात. मात आजय तांकां गांवच्या देवस्थानांनी मान आसा. एके काळावयल्या इतिहासीक म्हत्वाच्या गजालींक आज सांस्कृतिक म्हत्व प्राप्त जाल्लें दिसता.

चंद्रवाडीच्या नाडकर्ण्यान आपल्या नाडकर्णाच्या खुस्तार चंद्रेश्वर देवाचे कांय उत्सव दर वर्सा मनोवपाची चाल आशिल्ली. नाडकर्णी घराणें, खंयच्या वर्सा कोणें ही जबाबदारी उखलपाची हें आपसात थारायतालें. आज नाडकर्ण्याचीं (कुळकर्ण्याचीं) एक–दोन घराणींच आपले पूर्विल्ले लागणुकेक चिकटून आसता.

आठ देसायी, णव नाडकर्णी
णव मण धूप जाळिती गे,
रथाचो हानो जोमिती गे.

गांवच्या लोकगीतांनीय अशेतरेन नाडकर्ण्याच्या चंद्रश्वर–सेवेचो उल्लेख मेळटा.

कुळकर्ण्याचें मूळ घर खुद्द आमोण्यांत चिड्डुगाळ नांवाच्या जाग्यार आशिल्लें. आज त्या घराचे हयन्हयशे अवशेश दिश्टी पडटात. 'राजांगण' आशिल्लें, आमोण्यांतलें तें पयलें घर. त्या घराचे आज मेळपी अवशेश अभ्यासल्यार त्या काळावयल्या कुळकर्ण्याच्या ऐश्वर्याची कल्पना करूंक येता.

सध्याक आमोण्यांत, 'तळवडकार' आनी 'शेळडेंकार' ह्या दोन घराण्यांचें प्रत्येकी एक एक घर आसा. पैंकी शेळडेंकारांच्या घरांत कोण रावनात. फकत 'म्हाळा–उमाशेक', येवन वतात. म्हाळ–उमास करपाखातीर ह्या घराण्यांत वर्स वांटून घाल्लें आसता. तळवडकार घराण्याच्या मूळ घराचे अवशेश नव्या घराच्या लागींच आसात. आमोण्यांत आनी आमोण्याभायर रावपी तळवडकार कुटुंबां एक जावन ताणीं हालींच ह्या पोरन्या घराच्या जाग्यार 'पुरसाक' एक देवळी बांदल्या. सणा–परबेवेळार ह्या पुरसाची पुजा जाता.

कुळकर्ण्यांक तांचे चाकरेबदला आमोण्यांत जमीन सुटिल्ली आशिल्ली. गांवाकडेन संबंद सुटल्या उपरांत कांय जाणांनी आप–आपल्या वांटयाची जमीन थळाव्या वा भायल्या मनशांक विकली. कांय जाणांचे मालकेची जमीन आजुनय आमोण्यांत आसा.

आमोण्याकडेन संबंदीत पूण आज शिरवय गांवच्या देवूळमळ वाड्यार रावपी 'रेगे' घराण्यांत 'दोन पुरूस' पुजेक लायिल्ले दिसतात. हांतल्या एकाक 'पुरूस' अशेंच म्हण्टात जाल्यार दुसऱ्याक 'खेत्री पुरूस' अशें मानतात. ह्या खेत्री पुरूसाविशीं एक आख्यायिका सांगतात ती अशीः एकदां खंय ह्या घराण्याचो एक वंशज पर्वतार म्हाल–मंडळाचे बसकेक गेल्लो. थंय ताची आनी म्हाल–मडळांतल्या खेत्रीवंशाचे एका दादल्याची बाचाबाची जाली. खेत्रीवंशाच्या त्या दादल्यान

ताका रागान जिवानिशीं मारलो. कांय काळा उपरांत आपल्या चुकेक तो आपली आदरास करपाखातीर दाखलो दाखोवंक लागलो तशी तार्णी ताका हाडून (ताच्या आत्म्याक पुतळ्यान बांदून हाडलो असो समज) घरांत पुरसाकडयांत दवरलो आनी दरवर्सा ताची पूजा करपाक सांगलें. वयर सांगल्या ती घडणूक 'गोरवां पाडव्या' दिसा घडिल्ली आनी बायलांक कपडयांक [illegible] घरांतल्या बायलांक त्या दिसा 'सान्नां' करपाची ताकीद दिल्ल्यान, ताच्या नंतर आज दरवर्सा गोरवां पाडव्या दिसा ताचे वंशज 'ब्राह्मण' वाडटात आनी ताका गुदस्ता सान्नां खावक घालतात ताचो, म्हणजे 'खेत्रीपुरसाचो' नाल्ल ह्याच दिसा बदलतात.

ह्या घराण्यांत पुरसाकडेन 'कृष्ण पदक' (पूर्वजांची एक कुळखूण) पूजेक दवरिल्लें मेळटा.

कुळकर्ण्याच्या णवूय घराण्याचे वशंज हरशीं खंयय रावूं पूण दर वर्सा आपल्या मूळ गांवांत होळयेक नाल्ल मारूंक येताले. आज ती चाल बंद पडत गेल्या.

भट :

आमोणें गांवांत भटांची तीन घराणीं आसात. प्रत्येक घराण्याचें गांवांत एक एकूच घर आसा. हांतलीं दोन घराणीं 'देशस्त' जाल्यार एक 'कोंकणस्त'. दोनय देशस्त घराणीं 'जोशी' आडनांव लायतात जाल्यार कोंकणस्तांचें घराणें 'बर्वे' आडनांव लायता.

देशस्तांच्या घराण्यांपैकी एक घराणें भारव्दाज गोत्री तर दुसरें गौतम गोत्री. गांवांत भारद्वाज गोत्री भटांक 'उंचले भट' अशें म्हण्टत जाल्यार गौतम गोत्री भटांक 'सकयले भट' अशें म्हणटात.

भारद्वाज आनी गौतम ह्या दोनय घराण्यांक चंद्रवाडींतलें पुरयतपण आनी चंद्रेश्वरगुरुंची वृत्ती सारकी वांटून आशिल्ली.

कोंकणस्तांचें घराणें 'वसिष्ट गोत्री'. ह्या घराण्यांतलो पुरूश 'हरदासपण' करतालो ताका 'गोंसाय' अशेंय म्हण्टात. आठवडयाक एकदां, चंद्रवाडींतल्या दर गांवांत भोंवन 'कोरडया धान्यांची' भिक्षा ताणें एकठांय करपाची चाल आशिल्ली. दर सोमाराक आनी उत्सवाच्या दिसा तांचें पर्वतार कीर्तन करपाचें आसतालें. सणा–परबेक गांवच्या लोकांखातीरय तो आपल्या घराकडेन किर्तन करतालो.

भारद्वाज गोत्री घराण्याची कुळदेवी 'शांतादुर्गा', गौतम गोत्री घराण्याची 'महालक्ष्मी' जाल्यार वसिष्ट गोत्रीची 'भवानी'.

आमोण्यांतल्या ह्या तिनूय भटांच्या घराण्यांक चंद्रेश्वर देवस्थानांतले तांचे सेवेखातीर, आमोण्यांत थारावीक शेत–जमिन सुटिल्ली आशिल्ली.

भटांच्या ह्या तिनय घराण्यांचीं घरां, तांची मांडणी आनी बांदावळ ह्या गजालींचो अभ्यास केल्यार तीं गांवांत कुळकर्णी आयल्या उपरांतच आयलीं अशें म्हणचें पडटा. मात तिनय घराणीं गांवांत वांगडाच आयिल्याचें सांगतात. तशेंच आपलो संबंद तीं पुराणांतल्या पुरशुरामाकडेन आशिल्ल्याचें सांगतात. ते विशी आख्यायिका अशी:

सहस्त्रार्जुनान (कार्तविर्यान) परशुरामाच्या बापायचो म्हणजे जमदग्नी ऋशीचो सवत्स कामधेनुखातीर एकवीस घावे घालून वध केलो. तेन्ना परशुरामान, सहस्त्रार्जुनाक मारून ताचो बदलो म्हण एकवीस वेळा पृथ्वी निक्षत्रीय केली. उपरांत आपल्या अधिकाराची जमीन ताणें कश्यप ऋशीक दान केली. दान केल्ले जमनीर रावपाचो आपल्याक कांयच अधिकार ना अशें चिंतून तो दक्षिणेकडेन आयलो. दक्षिणेकडल्या सह्याद्री पर्वतार रावन ताणें सकयले वाटेन एक बाण सोडलो तेन्ना दर्या थोडो फाटीं सरलो. ज्या जाग्यावयल्यान दर्या फाटीं सरलो, उपरांत ताका 'परशुराम क्षेत्र' अशें नांव पडलें. हीच आयची 'कोकण पट्टी'. हे कोंकण पट्टेंतल्या गोंय प्रदेशांत, परशुरामान अठरा देवस्थानाची स्थापना केली आनी त्या देवस्थानांच्या सेवेखातीर शाण्णव भटांची कुळां त्रिहोत्रपूर (तिरहूत) हांगाच्यान गोंयांत हाडलीं. त्या अठरा कुळां मदलीं हीं तीन कुळां अशें मानतात.

भारद्वाज गोत्री घराण्यांत आज जो वंशज आसा, ताज्या शेणज्या संबंदीत एक आख्यायिका आयकूंक मेळटा, ती अशीः

भारद्वाज गोत्री घराण्याचो एक पूर्वज, श्री रंगनाथ भट जोशी हांकां भुरगें नाशिल्लें, देखून ताणें श्री. सांत भट जोशी हांका विधीपूर्वक पोसको घेतलो.

ह्या सांत भटाचें मूळ घराणें दिवचल तालुक्यांतल्या कारापुर गांवचें. कारापुरच्या श्री शांतादुर्गेच्या देवस्थानाचें पुजारीपण ह्या घराण्याकडेन आशिल्लें. शिवाय म्हाजनकीचोय अधिकार आशिल्लो. पूण कांय कारणांक लागून पुजारी आनी ग्रामस्थ हांचे मदीं वायटपण आयलें आनी ग्रामस्थांनी पुजाऱ्याचो कांटो काडपाचें थारायलें. देवतेच्या वर्सुकी जात्रेक रथ वोडटात. ह्या रथा वेळार 'बळी' दिवपाचो आसता तेन्ना बोकड्याबदला, बळी म्हण भटांचें 'नवें व्होंवर' कापप असो गांवच्यांनी कट केलो.

ही खबर सारमानशेर रावपी एका कामत घराण्याक कळ्ळी. ताणें हळूच भटाक शिटकावणी दिली. श्री सांत भट जोशीचें तेन्ना नवेंच लग्न जाल्लें. गांवच्यालो कट आयकून सांत भटाचेर अकांत आयलो. ताणें देवतेची आराधना करूंक सुरवात केली. जात्रेक पांच दीस आसात म्हळ्यार देवतेन ताका सपनांत येवन दृष्टांत दिलो आनी जात्रेच्या निमाणे दिसा थंयच्यान पळून वचून चंद्रवाडींत रावपाक सांगलें. वतना आपलो 'वरदहस्त' य काडून व्हरपाक सांगलो.

देवतेन सांगिल्ल्याप्रमाण, भटान उत्सवाच्या निमाण्या राती म्हळ्यार पांचव्या राती, देवतेची पुजा करून कोणाक कळना अशेतरेन तिचो वरदहस्त' काडून घेतलो. पुजे उपरांत 'संतर्पणां' चालू जालीं. अश्यावेळार 'परसाकडेन वतां' अशें सांगून सांतभट थंयच्यान हळूच भायर सरलो. घोवाच्या सांगाताक वता अशें सांगून ताच्या बायलेनय थंयच्यान कूस मारली.

गांव सोडटना सांत भटान आपल्या बरोबर फकत देवतेचो वरदहस्त आनी तांबयो, पडगो, पळी आनी पंचपात्र अशें पुजेचें सामान घेतिल्लें.

चलत चलत भट–भटीण दोगांय चंद्रवाडी शेजारच्या जांबावले गांवांत पावलीं. जांबावले गांवची 'वृत्ती' धरून तीं थंय काय काळ रावलीं. त्याच काळार आमोणेच्या रंगभटान आपल्याक भुरगें ना म्हण 'पोसको' घेवपाचें थारायलें. आपल्याच गोत्राचो एक भट जांबावले गांवांत रावता ही माहिती कळून तो थंय गेलो आनी सांत भटाची इत्सा जाणून ताका पोसको घेतलो. अशेतरेन

कारापुरचो सांत भट आमोणें गांवांत पावलो.

आमोणेच्या भटांक चंद्रवाडीच्या बावीस गांवचें पुरयतपण आनी [illegible] अधिकार (धारावीक) कसो मेळ्ळो, हे विशीं अशी आख्यायिका मेळटा.

विक्रमादित्य चालुक्यान जरी सव्या शतमानांत गोंयचेर आशिल्ले [illegible] कदंबांचें [illegible] नश्ट केल्लें तरी कदंबवंशाचो पुराय नाश जावंक नाशिल्लो. गोंयांत चंद्रपूरांत तांचें एक ल्हानशें संस्थान आशिल्लें. चालुक्या उपरांत गोंयचेर राष्ट्रकुटांनी सत्ता [illegible] आनी ह्या राष्ट्रकुटांनी गोंयच्या कदंबांक मांडलीकत्व मेळ्ळें ही माहिती फाटीं आयल्यान इ.स. ९८० वर्सा [illegible] कदंब राजवंशाची स्थापना जाली.[८] पूण हे पयलीं, [illegible] मांडलीक आशिल्ले त्या वेळावेली ही गजाल.

कदंबराजा माधवराव हांचो ताम्याच दरबारांत, म्हाळ भट नांवाच्या एका भटान अपमान केलो म्हण राजान ताका मरणाची ख्यास्त फर्मायली. ही गजाल घडिल्ली, त्याच काळांत राजपुत्राचें लग्न जाल्लें पूण गुखार खूब काळगेरेन ताका भुरगें बाळ कांयच जालेना. तेन्ना कुळगुरून राजाक सांगलें की, ह्या सगळ्याक त्या भटाची हत्या कारण आसा म्हण आनी ते हत्येचें पातक निवारण करपाखातीर चंद्रेश्वर देवस्थानांत वचून, चंद्रेश्वराचे सेवेन ताका कांय काळ घालपाक सांगलें.

कुळगुरून सांगिल्ल्याप्रमाण राजान केलें. रोखडेंच राजाक ताचे सेवेचें 'फळ' मेळ्ळें. राजागेर पुत्र जल्माक आयलो. तेन्ना राजान खोशालभरीत जावन चंद्रेश्वराच्या पुजाऱ्यांक (भटांक) चंद्रवाडीच्या बावीस गांवचें पुरयतपण आनी कांय जमीन इनाम दिली. चंद्रवाडी भायल्या कांय गांवांनी पुरयतपण करपाचो अधिकार दिलो.

हे आख्यायिकेक पुरक थारूं येता अशें एक कागदपत्र वा अधिकारपत्र आज ह्या पुजाऱ्यांकडेन मेळटा. शके ८३८ वर्सांचें हें पत्र नागरी लिपयेंत आनी कन्नडभाशेंत आसा. दीस सोमार, तीथ बहुळ द्वादशी.

नायक :

आमोणें गांवचो कटोवाडो नायक जातीन वसयलो. कटोवाड्यार नायक जातीची सात घरां आसात.

शेटकार :

कटोवाड्यार शेटकार घराण्यान पयली वसणूक केली. ह्या घराण्याचो कुळदेव सप्तकोटेश्वर.

हें शेटकार घराणें आमोण्यांत खंयच्यान आयलें ? कशें आयलें ? आनी ताका 'शेटकार' आडनांव कशें पडलें? हे विशीं फुडली आख्यायिका सांगतातः

शेटकार घराण्याचो पूर्वज पोरन्या नार्वेचो. आमोणेच्या गांवकारासारकोच, होवूय आपलो जीव

वाटावपाखातीर, आपलो मूळ गांव सोडून पळून आयिल्लो. येतना ताणें आपल्या गांवचे शिमेर मीठ पेरिल्ल्याचें आनी गांव सोडटना ताणें वळाराचो (कांकणकाराचो) भेस घेतिल्ल्याचें सांगतात.

हांगा थंय भोंवंत भोंवत, तो मनीस नार्वेच्यान आमोणें गांवांत पावलो पूण रावपाचो थारो आजून थारलो नाशिल्लो. कितें करचें ? खंय वच्चें? तेंच ताका सुचनाशिल्लें.

ज्या दिसा तो आमोणें गांवचे शिमेभितर सरिल्लो, त्या दिसा चंद्रनाथ पर्वतार मोठो उत्सव चलतालो. आख्खो गांव पर्वतार लोटिल्लो. गांवच्या लोकांबरोबर होवूय मनीस पर्वतार गेलो. त्या वेळार थंय चंद्रवाडीचो दुसरो भोजराजा चंद्रवर्मा गोमीन हाजीर आशिल्लो. राजान एक 'पण' दवरिल्लो. तो 'पण' असो आशिल्लो : मळकर्णे गांवच्यान बावीस जाणांनी उबारून (एक खूब मोठो) पणस पर्वतार हाडिल्लो आनी तो थंय एके केळी शिर्तेर दवरिल्लो. जो मनीस दोळ्यांक पट्टी बांदून एकाच घाव्यान, केळी शिर्ती कापनासतना पणसाचीं दोन अर्दीं करतलो, ताका मागता तें इनाम राजा दितलो आशिल्लो. मात हारत जाल्यार ताका जिवानिशी मारपाची ख्यात फर्मायतलो आशिल्लो.

राजाचो हो 'पण' स्वीकारपाक कोणूच मुकार सरना जालो. अश्या वेळार शेटकारांच्या पुर्वजान चिंतले की जर आपूण हो 'पण' जिखत जाल्यार आपलें नशीब उजवाडटलें. नाजाल्यार, एकूण म्हण आपूण कोणांयच्याय हातांतल्यान मरतलोच, तो देवाच्या पांयांकडेन मरूं दी.

सिध्दाचे तळयेंत न्हावन ताणें आपल्या कुळदेवाक उलो मारलो. आपले दोळे बांदले आनी हातांत तरसाद घेवन, एकाच घाव्यान , केळी शिर्तेक मातपूण घावो करनासतना पणसाचीं दोन अर्दीं केलीं आनी 'पण' जिखलो.

'पण' जिखलो तसो राजा खोशालभरीत जालो. ताणें ताची वासपूस करून ताका जाय तें इनाम मागपाक सांगलें. तशी ताणें आपली कर्मकाणी राजाक सांगली आनी आमोणें गांवांत आपल्याक रावपाखातीर आश्रय मागलो. राजान ताका रावपाखातीर आनी पोटा-पाणयाचे वेवस्थेखातीर कांय जमीन दिवपाचो आदेस आपल्या कुळकर्ण्याक दिलो. शिवाय जे तरसादीन पणस कापिल्लो ती 'तरसाद' आनी एक 'ताम्रपट' ताका भेट दिलो.

ज्या जाग्यार आज कटोवाडो वसला, थयंची कांय जमीन शेटकारांच्या त्या पूर्वजाक राजान इनाम म्हण दिल्ली. त्या वेळार थंय वस्ती नाशिल्ली, सगळ्याक अटंग्य रान आशिल्लें. सगळे कडेन 'शमीचीं झाडां' पातळिल्लीं. वाग-वागटां आनी हेर हिंस्त्र सावदां त्या रानांत भोंवतालीं. तें पळोवन तो भियेलो, थंय रावपाक ताका धीर जायना जालो. तसोच परत्या पावलान तो चंद्रनाथ पर्वतार गेलो आनी चंद्रेश्वर देवाक 'कौल' लावन आपल्याक त्या जाग्यार रावपाक राखण मागली. त्यावेळार देवान ताका राखणेचो कौल दिलोच शिवाय वर्साक एकदां पांच दीस ताज्या घरा येवन रावपाचें उतर दिलें. उपरांत शेटकारांचो तो पूर्वज आपल्या जाग्यार परतो गेलो आनी थंय घरदार बांदून ताणें तो जागो वसयलो.

वर्साक पांच दीस जेन्ना चंद्रेश्वर देव कटयार वचून रावता, तोच 'व्हडलो शिगमो' म्हण आमोणें गांव मनयता. फाल्गून वद्य एकादशीन सुरू जावपी आनी फाल्गून उमाशेक सोंपपी ह्या उत्सवाचें 'हळदुणें' फाल्गून वद्य एकादशी दिसा शेटकारान पर्वतार वचून वाजत-गाजत घेवन

येवपाचें आसता. अशेंपरी कदंबान कौल येवपाची पयली मान शेटकारांची.

आज शेटकारांचो नवो मठ मद्दी वाड्यार जाल्ली [illegible] मुळभुडी कट्यावयल्या देवळांत येनात. पूण कुडींग उबे जाले म्हणटकच ते धांवत मद्देर वतात.

मद्देर वतकच चंद्रेश्वराचो अवसर पयलीं 'चक्राच्या' शेताकडेन वचून उबो रावता. थंय भूतनाथाचो भार नाल्ल फोडटा मागीर दोगांय भार मठांत वतात, थंय कौल जाता.

शेटकारांचो मूळ मठ मुळभुडी कट्यार आशिल्लो. कांय कारणांक लागून ताची [illegible] जालोना आनी तो मोडून गेलो. पोरनो मठ मोडल्या उपरांत 'मळग्याक' [illegible] मद्देर [illegible] आनी नवो मठ बांदून ताची थंय स्थापना केली. आज शिगम्याक, चंद्रेश्वर भूतनाथाचे अवसर [illegible] म्हणटकच शेटकारांच्या नव्या मठाकडेन वचपाक धांवतना, वाटेर ह्या मूळ [illegible] आनी थंय नाल्ल फोडून मुखार वतात.

राजा चंद्रवर्मान भेट दिल्ली 'तरसाद' आनी 'ताम्रपट' आज शेटकारांच्या घरांत मेळना. पूण आज ह्या दोनींय वस्तींचें म्हत्व उमजल्यान तांचो शोद घेवपाची गरज [illegible]. शेटकारांच्या मूळ मठांत पुजेक लायिल्ल्यो ह्यो दोनय वस्ती जेन्ना तो मठ मोडलो तेन्ना [illegible] पुरवल्ल्यो आसूंक जाय असो दुबाव उक्तायतात.

पोरन्या नार्वेंच्यान आयिल्ल्या ह्या नायक जातीच्या पूर्वजाक 'शेटकार' नांव कशें पडलें ते विशीं :

'शेट' म्हणजे वेपारी. पूर्विल्ल्या काळार तांकां 'शेटकार' अशेंय म्हण्टाले. शेटकार घराण्याच्या पूर्वजान आपलो जीव वाटावपाखातीर 'वळाराचो' भेस घेतिल्लो म्हण ताका तें नांव पडलें. [illegible] गांवांत स्थायीक जाल्या उपरांत कांय तेप कांकणां करपाचो धंदो तागे सुरू केल्ल्याचें सांगतात. कटोवाड्यार ताच्या घरांतच ताची कांकणां करपाची 'साळ' आशिल्ल्याची माहिती मेळटा.

जे कांकणाचे माळीन शेटकारांच्या पूर्वजाचो जीव वाचयलो ती कांकणांची माळ 'काळब' ह्या नांवान शेटकारांचे देवाकुडींत आजय पुजेक लायिल्ली आसा. तिका 'काजेल देवी' अशेंय म्हण्टात.

शेटकार घराणें पयलीं कुकड खावप वा कापप म्हळ्यार निशिध्द मानताले. कुकड खावपी वा कापपी मनशांक लेगीत ह्या घराण्यांतले मनीस आफुडनाशिल्ले. हालींच्या तीस चाळीस वर्सांत, म्हळ्यार जेन्ना खुद्द आमोणें आनी कटो वाडो हांचेमदले संबंद दुखवले तेन्नाच्यान शेटकार वंशाचो एक पूत वर्साच्या जोगणीचे कोंबे कापपाचें काम करता.

आपल्या घराण्याच्या एका पूर्वजान एका काळार खेत्री धर्म स्विकारलो आनी ताची गवाय म्हणजे, आपल्या घराकडेन आशिल्लो 'चक्राचो खेत्री' अशें ह्या घराण्यांतल्या वंशजांचें म्हण्णें आसा. आमोणेच्या गांवकारांमदीं जसो गांवकारपणाचो अधिकार दर घराक वांटिल्लो आसा, तसो शेटकारपणाचो ना. परंपरेन शेटकारान करपाचें सगळें देव–देवस्पण घराण्यांतल्या व्हडल्या पुताकडेन आसता. हेर सगळ्या वंशजांक 'शेटकार' आडनांव लावपाची मेळकीक आसा. तशेंच पूर्वजांच्या शेत–भाटांचोय तांकां वांटो आसा. सद्याक ह्या घराण्यांत श्री. रत्नाकर भास्कर शेटकार हो

शेटकारपण करता.

एकाकाळार कटो वाड्यावयलें जें देवस्पण आमोणेचो 'गांवकार' करतालो तें आज 'शेटकार' करता.

शेटकारां उपरांतचें नायक जातीचें दुसरें घराणें हें मूळ बोरयेचें (फोंडें तालुको). ह्या घराण्याची कुळदेवी 'नवदुर्गा'. बोरये गांवांत जावपी तिच्या जात्रेच्या दिवजोत्सवांत 'दिवज' पेटोवपाचो अधिकार आजय तांच्या बायलांक आसा.

बोरयेसाकून आयल्या उपरांत ह्या घराण्याचो पूर्वज चंद्रवाडींतल्या शिरवय गांवच्या देवूळमळ वाड्यार स्थायीक जालो. स्वताच्या मामानच ताका पोसको घेतिल्याचें सांगतात. थंयच्यान मागीर ताचें घराणें आमोण्यांत पावलें. देवूळमळावयल्या मामान ह्या घराण्यांतल्या पूर्वजाक पोसको घेतिल्लो आशिल्ल्यान, तें घराणें चांमुडेश्वरीकय आपली कुळदेवी मानता.

ह्या घराण्याक शेळडें गांवांत आशिल्ल्या एका 'नायक' घराण्याचें दायजीपण आसा. शेळडेचें तें घराणें बोरयेसाकूनच शेळड्या गांवांत आयिल्लें. बोरये गांवांत आशिल्ल्या आपल्या पूर्वजांच्या फाटल्या संबंदांची याद म्हण शेळडेचें तें घराणें, दर वर्सा चवथीक बोरये गांवांत वता, थंय आपल्या घराकडेन तुळशीचे पेडयेर मातयेचो गणपती (आकृती) स्वता करून दवरता आनी ताची पुजा करता. उपरांत शेळडेच्या आपल्या घरा येवन गणपती पुजेक लायता. बोरये गांवांत गणपती पुजेक लायल्या शिवाय, शेळडेच्या आपल्या घरांत गणपती पुजेक लावपाचो ताका निरोप ना अशें मानतात. हें घराणें 'नायक' अशेंच आडनांव लायता.

नायकांचें तिसरें घराणें, दिवचल तालुक्यातल्या 'नार्वे' गांवच्यान आयिल्लें. सादारणपणान तीन पिळग्यांफाटीं ह्या घराण्याचो पूर्वज आमोण्यांत आयिल्लो. ह्या घराण्याची कुळदेवी 'भवानी'. तिचो 'कुचो' आजय ह्या घराण्यांत पुजेक लायिल्लो आसा.

ह्या घराण्यांतल्या पुरूशाच्या आंगार भवानीचो अंवसर येवपाची चाल आशिल्ली. आज ही चाल बंद पडल्या. भवानीचो कौल घेवपाखातीर तिच्या ह्या अंवसरा म्हऱ्यांत लोक वताले. भवानीचो 'गोंधळ' घालपाचीय चाल ह्या घराण्यांत आशिल्ली. तशेंच भवानीचो कुचो घेवन दर मंगळारा दिसा ह्या घराण्यांतली बायल मनीस गांवांत (चंद्रवाडींत) फेरो मारताली. ह्यो सगळ्यो चाली आज बंद पडल्यात. 'नायक' अशेंच आडनांव हें घराणें लायता.

ह्या नायक घराण्याशिवाय दोन पिळगेफाटीं आमोण्यांत येवन स्थायीक जाल्लीं आनी 'नायक' हेंच आडनांव लावपी आनीक दोन घराणीं आमोण्यांत आसात.

ह्या घराण्यांशिवाय मठग्रामांतल्यान, म्हळ्यार मडगांवच्यान आमोणें गांवांत येवन स्थायीक जाल्लें 'मडगांवकार' आडनांव लावपी आनी एक घराणें आसा. ह्या घराण्याविशीं अशें सांगतात, ह्या घराण्याचो पूर्वज मठग्रामांतल्या 'म्हाड्ड' नांवाच्या वाठारांत आशिल्ल्या श्री दामोदर देवाचो कुळावी आशिल्लो. बाटा–बाटीच्या वेळार जेन्ना पोर्तुगेज धर्मकोल्ल्यांनी ह्या देवाचें देवूळ मोडलें, तेन्ना श्री दामोदर देवाच्या (दामुबाबाच्या) भक्तांनी त्या मोडिल्ल्या देवळांतलें, देवाचें 'व्हडले लिंग' थंयच्यान हुमटावप दुसऱ्या एकाद्रया सुरक्षीत जाग्यार व्हरपाचो यत्न केलो. पूण थंयचें लिंग हुमटावन तांकां शक्य जालें ना. तेन्ना ताणीं लिंगाचो वयलो भाग तोडून, तो जांबावले गांवांत व्हरून स्थापन

केलो.

ह्या लिंगाचो गुळचो भाग आजुनय मडगांवच्या म्हादद बाजारांत पळोंवक मेळटा. तेन्नाच्या वेळाची तळीय आज थंय दिसता.

मडगांवच्यान दागबाबाबरोबर आयिल्लें हें घराणें, आमोणें गांवांत स्थायीक जालें. पूण ह्या घराण्याचो गुळपुरूस शेवटमेरेन दागुबाबाचे सेवेन आशिल्ल्यान, ताच्या उपरांत सगळ्या घराण्याक दागुबाबाचो निरंतर सहवास लाबला अश्याच जाग्यार, म्हळ्यार दागुबाबाच्या देवळाच्या वाठारांत जाली.

आपल्या पूर्वजांक कितेंय मान करपाचो आसल्यार हें घराणें आजय गांवच्ये वतीन करता. दागुबाबाक विवज पेटोवपाचोय अधिकार ह्या घराण्यांतल्या बायलांक आसा.

ह्या घराण्याचो एक वंशज आज कुडचडें गांवांत स्थायीक जाल्लो आसा.

वयर माहिती दिल्ल्या नायक जातीच्या घराण्याशिवाय 'गांवकार' आडनांव लावपी एक नायक जातीचें घराणें आमोण्यांत आसा. आज ह्या घराण्याचे लग्न संबंद हेर गांवच्या नायक जातीच्या घराण्याकडेन जातात. पूण ह्या घराण्याची उत्पत्ती गावडी जमातीच्या घराण्यांतल्यान जाली आशिल्ल्याचें सांगतात.

ह्या घराण्याच्या एका वशंजान किरिस्तांव धर्म स्वीकारलो, ते विशीं अशें सांगतात:

(ही गजाल गोंय मुक्ती पयलींची) तो वंशज धायेक वर्सांचो आसतना कुंकळ्ळें गांवच्या एका किरिस्तांव भाटकारालीं गोरवां राखतालो. भाटकाराच्या भाटांतच, ताच्या घरकुशीक तो एक वेगळी खोप बांदून रावतालो. आपलें जेवण बी तो स्वता रांदून जेवतालो.

एकदा गांवांत व्हडली जोरी आयली आनी तिची बाधा ह्या भुरग्याकय जाली. एका दिसा तो जोरान सामको फणफणूंक लागलो. भुकेनय गादेलो. दोन-तीन दीस सारकून तो जोरान सामको हांथुणाक लागून आशिल्ल्यान ताच्यान रांदूक जालेंना आनी तितके दीस मेरेन ताच्या पोटांत एक अन्नाचो कणय गेलो ना. उपाशी उरिल्ल्यान तो सामको नरम जालो, ताज्यान देकून लेगीत उठूंक जायना जाले. त्या भाटकाराली बायल त्या भुरग्याक खूब जीव करताली. ताका सामको थंड पडला तें पळोवन तिचेर सामको अकांत आयलो, कितें करचें तें सुचना जावन आनी आपूण किरिस्तांव हेंवूय विसरून तिणें धांवत वचून 'पेजेचो नीस' ताच्या तोंडाकडेन धल्लो.

उपरांत तिणें घेतिल्ल्या कश्टांनी आनी केल्ल्या उपायांनी तो भुरगो बरो जालो. पूण ताच्या सोयऱ्या-धायऱ्यांनी ताका जातीभायर दवरलो. त्यावेळार आपणे केल्ले चुकीचें परिणाम त्या भुरग्याक भोगचें पडलें हें येवजून ते भाटकान्नीन ताका आपलो पूत मानलो आनी आपले गिरेस्तकायेचो वांटो दिवन ताका किरिस्तांव धर्माची दिक्षा घेवपाक लायली.

बन्ने :

बन्ने म्हळ्यार उतराक बांदिल्ले, गुलाम, विकते घेतिल्ले चाकर. कांयकडेन बन्यांक 'बंदे' अशेंय म्हण्टात. बन्यांची लागणूक आनी तांचे विशीच्या हेर गजालींचो अभ्यास केल्यार 'बन्ने' हें

उतर मूळ 'बंदे' ह्या उतरापासुनच घडलां अशें म्हणचें पडटा.

पूर्विल्ल्या काळार, राजा–राजवाडे वा भाट–भेसकार (चड करून भट–बामण समाजांतले लोक) आपल्या वावराखातीर एकाद्रें 'चेडूं' वा 'चेडो' विकतें घेताले. जांकां आपल्या भुरग्यांक पोसप शक्य नासतालें वा आनीकय कांय कारणांक लागून पूर्विल्ल्या काळार लोक (तांदूळ–गोट्यां बदला) आपल्या भुरग्यांक विकताले. चल्यां परस चलयांक विकपाचें प्रमाण चड आशिल्ल्याची माहिती मेळटा.

विकतें घेतिल्लें आशिल्ल्यान ह्या भुरग्याची मूळ जात पोदांक पडून उपरांत ताका 'बन्ने' ह्याच नांवान लोक वळखतालें. मुखार तागेर जी संतत जल्माक येताली, तिचेकडेन परंपरेन बन्नेपणाचो वारसो येतालो आनी तांकाय 'बन्ने' हेंच नांव पडटालें.

ह्या घराण्यांतल्या चल्यांच्या लग्नांचेर बंदनां नासतालीं. मात चलयांक लग्न जावंक मेळनाशिल्लें. सुरवातेक अशेतरेन विकते घेतिल्ले चलयेचेर बळजबरी जाल्ल्याची वा कोणेंतरी तिचो जबरदस्तीन भोग घेतिल्ल्याच्योच देखी आयकूंक मेळटात. अशे बायलेगेर जी संतत जल्माक येताली ती मागीर समाजात उपेक्षीत कशी जगताली. देखून समाजांत थोडो तरी मान मेळोवपाच्या हांवेसान 'शेंस विधी' ह्या घराण्यांत उपरांत सुरू जालीं.

सामाजिक जागृती वांगडा, इल्ली इल्ली करून लग्नाविधी ह्या घराण्यांत भितर सरली पूण हालींच्या काळमेरेन, म्हळ्यार सरकारान शेंस विधीचेर बंदी घालमेरेन, ह्या घराण्यांतले निदान एकेतरी चलयेक लग्न करनासतना घरा दवरूंकच जाय अशी तांचेर सक्ती जाताली.

ह्या घराण्याची उत्पत्ती कामाक दवरिल्ल्या 'चेडवा पासून' जाता आशिल्ल्यान तांचे जातीक 'चेडवां–जात' अशेंय म्हण्टाले.

आमोणें गांवांत बन्न्याची जात फकत खुद्द आमोण्यांतच आसा. गांवांत मेळपी ह्या जातीचीं घराणीं सगळीं पांच. तांचे विशी माहिती अशीः

कारापुर गांव सोडून जांबावले गांवांत येवन स्थायीक जाल्ल्या सांत भटाक आमोणेच्या भारव्दाज गोत्री रंग भटान पोसको घेतिल्लो ही माहिती फाटीं आयल्याच. हो सांत भट आपल्या कुटुंबासयत आमोण्यांत रावपाक येतना ताणें बरोबर घरांतल्या वावराक म्हण 'सतरकार' जमातीचें एक चलीभुरगें (चेडूं) 'मुडीभर' तांदळांक विकतें हाडिल्लें. हें चली जेन्ना वयार आयलें तेन्ना गांवच्या गांवकार घराण्यांतल्या एका दादल्यान ताचो भोग घेतलो. उपरांत तें चली गुरवार जावन तागेर भुरगें जल्मलें. मागीर सांत भटान ताका आपल्या घरा शेजरा खोप बांदून रावपाक जागो दिलो. मुखार त्या गांवकाराकडेनच 'संबंद' दवरून राविल्ल्यान तागेर आनीकय संतत जल्मली आनी ताच्या वंशाचो मागीर विस्तार जालो.

गांवकार घराणें आनी बन्नें घराणें आजय आपल्या रगताच्या संबंदांची फाटली लागणूक मानता. फाटले घडणुकेची याद म्हण, खुद्द आमोण्यांत धालांच्या मांडार आजय जेन्ना 'न्हवरो–व्हंकल' हो खेळ करतात तेन्ना गांवकान्नीन न्हवरो आनी बन्न्याचे कुमारीकेन व्हंकल जावपाची चाल आसा.

गौतम गोत्री भटांच्या घराण्यांत पयलीं मानपाक 'वेदू' [illegible] [illegible] मागीर तांकां आपल्या अधिकारान एक 'बन्नी वेदू' दिलें. ह्या वेदवापसून [illegible], ताच्या पासून एक वेगळेंच घराणें जल्माक आयलें. ह्या दोनय घराण्यांमदीं [illegible] संबंद आसात, तरी लेगीत दोनय घराणीं वेगळीं अशीं मानतात.

वसिष्ट गोत्री भटांगेर ह्या दुसऱ्या घराण्यांतल्योच बायलो पयलीं [illegible] गांवकारांच्यो बायलो तांगेर धोंवूंक लागल्यो. ह्या दोनय घराण्यांतले [illegible], [illegible] राखप, हाड-व्हड करप असलीं कामां करताले.

बन्यांक तांच्या ह्या कामाच्या बदला दोन वेळचें 'जेवण' आनी [illegible] गेळटालें. हालींच्या काळार तांतूंत कांय बदल केले. दोन वेळच्या जेवणा बगर [illegible] धारावीक 'मण' भात मेळूंक लागलें. शिवाय रोवन खावपाक खातीर थोडी [illegible].

आयच्या सामाजिक आनी आर्थिक बदलांक लागून ह्या बन्नी घराण्याचो भटांच्या घराण्याकडचो 'बन्नेपणाचो' संबंद सुटला, तरी पूण फाटल्या संबंदांचो एक नाजूक [illegible] आसा. सणा–परबेक आजूय भटांचें घराणें बन्यांच्या घराण्याक 'पान' दिता. [illegible] बन्याचे जाण्टेलेची वा जाण्टेल्याची गुद्दाम याद करून भोवमान करता. बन्यान [illegible] आर्थिक नदरेन कितलेंय वयर पाविल्ले आसूं आजय चवथीक गणपती हाडप, [illegible] बांदप, नवा पंचमीक नवीं व्हरून दिवप, नवरात्रांनी माळांक फुलां व्हरून दिवप, अशे तरेची कामां [illegible] म्हण करता. तांच्या पोरसांतलें पयलें फळ वा फूल आजय भटांच्या घरांत वता.

बन्यांचें दुसरें घराणें रासय–वेर्णें साकून आयिल्लें. तांची कुळदेवी म्हाळस. पोर्तुगेजांच्या धर्मकोल्लीपणाच्या काळार जेन्ना तिका वेर्णेच्यान म्हाड्डोळा केली तेन्ना तिचो एक कुळावी, चंद्रवाडीतल्या आमोणें गांवांत येवन स्थायीक जालो. ह्या घराण्याचीं दोन घरां आज गांवांत आसात. आमोणें गांवांत येतकच शेत-भात रोवन ह्या घराण्याच्या पूर्वजान आपल्या पोटाचो प्रस्न सोडयलो.

तिसरें घराणें कवळेचें. ह्या घराण्याचें एकूच घर आसा. तांची कुळदेवी शांतादुर्गा.

चवथ्या घराण्याचेंय एकूच घर आसा. हें घराणें म्हणजे, आमोण्यांतल्या बन्याच्या [illegible] घराण्याचे भाचयेचे. हे भाचयेचे आवयक, सांगें तालुक्यांतल्या 'उगें' गांवांत लग्न करून दिल्लें. थंय हेमाडदेवाची 'घुडी' धरपाचें काम तिच्या घराण्याकडेन आशिल्लें. हे सेवेबदला तांकां जमनीन येनावळ सुटिल्ली आशिल्ली.

एकदां उगें गांवांत व्हडली 'जोरी' आयली. घरांचीं–घरां लोक मरून काबार जाले. आमोणेच्या हे धुवेच्याय घराण्यांक जोरयेन सोडलिना. तिचो घोव धरून घरभर सगळेलोक मेले वाचली ती एकटी आनी तिची दोन–अडेज वर्सांची धूव. ते धुवेक घेवन ती मागीर आपल्या भावां म्हऱ्यांत आमोण्यांत आयली ती परती केन्ना उगें गांवांत गेली ना. कांय वर्सां वाट पळोवन उगें गांवचे ग्रामस्थ तिका व्हरपाखातीर आमोण्यांत आयले पूण ती परती गेलीना. थंयच्या शेतां–जमनीचोय अधिकार तिणें सोडलो. तिची धूव व्हडली जातकच तिका शेंस घाली. तिगेर भुरगीं–बाळां जल्माक आयल्या उपरांत ती मागीर आमोणें गांवांत वेगळें घर बांदून रावूंक लागली. अशेतरेन बन्याच्या एका वेगळ्या घराण्याचो जल्म जालो. ह्या घराण्यांतल्या मनशांनी आज उगें

गांवांत वचून रातचे वस्तेक रावूंक जायना असो समज आसा.

उगें गांवांत आसतना हेमाडदेवाक हें घराणें मानतालें. आमोणें गांवांत स्थायीक जातकच चंद्रेश्वर देवाक तें मानूंक लागलें.

ह्या घराण्याचो आनी गौतमगोत्री भटाच्या घराण्याचो 'दुदाचो' संबंद आसा. भटांच्या एका भुरग्याक दुवेंतपणाक लागून जेन्ना ताचे आवयक दूद पिवोवप शक्य जालेंना तेन्ना ती जाल्ली कीट वाचता काय मरता अशें जालें. त्या वेळार तांच्या घरांत वावर करपी बन्न्याच्या घराण्यांतले एके बायलेन आपल्या भुरग्याक दिवपाचें दुद बंद करून भटाच्या त्या भुरग्याक पिवयलें आनी अशेतरेन ताचो जीव वाचयिल्याचें सांगतात. भटाचो तो पूत मागीर तिका आपल्या आवयसमान लेखूंक लागलो. वर्साक एक नवें कापड आनी मणभर भात, त्या दुदाची याद म्हण तिका मागीर दिवपाची चाल सुरू जाली. बन्न्याची ती बायल आज ह्या संवसारांत ना तरी लेगीत तिच्या फाटल्यानय त्या नात्याची लागणूक चालू आसा.

पांचवें घराणें सामकें हालींचें, म्हळयार साठ–पासश्ट वर्सां आदिचें. गांवच्या मूळ बन्ने घराण्याची एक बायल मळकर्णे गांवांत एका भटा वांगडा रावताली. तिका भुरगें–बाळ कांयच नाशिल्लें. त्यावेळार नणय–घाटावयल्यान मळकर्णे गांवांत कोणेतरी भुरग्यां विकूंक हाडिल्लीं. तांतली एक चली तिणें विकती घेतली आनी आपल्या भुरग्याप्रमाण वाडयली. उपरांत हे चलयेक व्हड जातकच शेंस घाली. तिगेर एक चलो आनी एक चली अशीं दोन भुरगीं जल्मलीं. मागीर ती वेगळें घर बांदून रावंक लागली. आज ती बायल सुमार पासश्ट वर्सांच्या वयाची आसा आनी पुता–धुवेक लग्न करुन घरांत नातरां रांगतात. ज्या घराण्यान तिका विकती घेतिल्ली, त्या घराण्याचे वंशज आपल्या पुरसाचो अधिकार तिका दिवंक तयार नाशिल्ल्यान ती आपलें घराणें वेगळें मानता. तरी लेगीत तिच्या घरांत आजून 'पुरूस' ना.

शेंस घाल्ल्या बायलांनी धंद्याखातीर मुंबय शारांत वचपाची चाल मदल्या काळांत गोंयभर सुरू जाल्ली. आमोणें गांवातय हें वारें पावल्याबगर रावलेंना. कांय जाणांचीं भुरगीं–बाळां आज व्हड जावन मुंबय शारांतच स्थायीक जाल्लीं आसात.

बन्ने जातीचीं घराणीं पयलीं सर्रास 'फर्जद' आडनांव लायतालीं. जायत्या जाणांचें आजय तेंच आडनांव आसा जाल्यार खुबश्या जाणांनी, 'आमोणकार', 'नायक' अशीं आडनांवां लावपाक सुरवात केल्या.

वाणी :

आमोणें गांवांत आज वाणी जातीचें एकूय घराणें रावना. पूण कांय वर्सां आदीं 'शेटकार' आडनांव लावपी एक घराणें खुद्द आमोण्यांत रावतल्याचें सांगतात. ह्या घराण्याक गांवच्या गांवगाड्यांत कांयच संबंद नाशिल्लो. चांदर गांव ह्या घराण्याचो मावोडे–गांव आशिल्ल्यान तें चांदर लागीच्या आमोणें गांवांत येवन स्थायीक जाल्लें. चाळीस वर्सांआदी ह्या घराण्याचो निमाणो वंशज आमोणें गांव सोडून आपल्या कुंटूबाक घेवन दुसरेकडेन रावपाक गेलो.

आजय आमोण्यांत तांच्या घराचे अवशेष पळोवंक मेळटात. ह्या घराण्याची कुळदेवी 'भवानी'. तांच्या घरांतल्या एका पुरुशाचेर भवानीचो अंगवार येतल्याचें सांगतात.

ह्या शिवाय 'दलाल' आडनांवाचें एक वाणी घराणें आमोणें शेजारच्या कुमठाळ गांवांत रावता. ताचो आमोणें गांवाकडेन खूब लागीचो संबंद आसा. चंद्रेश्वर देवस्थानाचे सेवेखातीर तांका आमोणें गांवांत शेत-जमीन सुटिल्ली आसा.

अशें सांगतात, चंद्रेश्वर देव पर्वतार वचना वाटेर मुळमुडी कटयार विसव घेवपाखातीर थांबिल्लो. त्यावेळार दलाल घराण्याच्या पूर्वजान देवाखातीर बसपाक 'लोड-गादी' घाली. ह्या गजालीची याद म्हण दलाल घराण्यान चंद्रेश्वर भूतनाथाच्या भारांक कडल्या शिबिकेकडेन बसपाखातीर लोड-गादी घालपाची चाल सुरू जाली. हे सेवेखातीर दलाल घराण्याक देवस्थानान आमोणें गांवांत कांय शेत-जमीन सोडली.

ह्या दलाल घराण्याचो पूर्वज मूळ घाटावयलो. भायल्या राज्यांतल्यान वेपार घेवन येवपी तारवां पयलीं कुशावती न्हंयेचेर, तारी पाणट्यार रावतालीं. तारी पाणट्याचे एकेवाटेन कुमठाळ गांव आसा तर दुसरे वाटेन आमोणें गांव. अशाच एका वेपार घेवन येवपी नावांबरोबर, वेपाराच्या संदर्भान ह्या दलाल घराण्याचो पूर्वज चंद्रवाडींत आयलो आनी तारीपाणट्याच्या कुशीक (कुमठाळ गांवांत) वस्ती करून रावलो अशी माहिती मेळटा.

अशे घाटावयलो वाणी
आला कोंकणात गे
चंद्रेश्वर दर्शनाक गे

अशें ह्या दलाल घराण्याच्या मूळस्थानाविशीं आमोणें गांवच्या चौरंगीनी आयकूंक मेळटा.

मडवळ :

आमोणें गांवांत मडवळ जातीचीं फुडलीं तीन घराणीं आसात :

खुद्द आमोण्यांतलें घराणें पयलीं आयले. ह्या घराण्याचीं आमोण्यांत आज तीन घरां आसात. ह्या घराण्याचो पूर्वज मूळ फोंडें तालुक्यांतल्या बोरये गांवचो. पोर्तुगेजांनी सुरू केल्ल्या बाटा-बाटीच्या काळार बोरये गांवच्यान पळून तो आमोण्यांत आयलो. आमोण्यांत येवन ताणें चंद्रेश्वर देवस्थानाकडेन आश्रय मागिल्ल्याचें सांगतात. चंद्रेश्वराचे पालखेनुसार 'पांयडाट' (पांयघडी) घालपाची आनी उत्सवाकडेन माटवाक 'वोली' बांदपाची चाकरी देवस्थानान ताका मान्य केली. चंद्रवाडीच्या बावीस गांवचें मडवळपणय करपाचें काम ताकां मागीर मेळ्ळें. एकाकाळार हें घराणें 'मायनाथ' आडनांव लायतालें, आज 'बोरकार' आडनांव लायता.

ह्या घराण्या उपरांत आमोण्यांतल्या कटोवाड्यार, नार्वे गांवच्यान एक मडवळ जातींचें घराणें

येवन रावलें. तांचो कुळदेव सप्तकोटेश्वर. आज चंद्रेश्वर देवाक तें मानता चंद्रेश्वर–भूतनाथाच्या अंवसराक बसपाखातीर दलाल घराणें जी लोड–गादी दिता, ती धुवन दवरपाचें काम ह्या घराण्याचें. एका तेंपार 'मायनाथ' आडनांव लावपी हें घराणें आज 'कटेकार' आडनांव लायता.

तिसरें घराणें कटोवाड्यारच आसा. ह्या घराण्याक चंद्रेश्वर देवस्थानांत तसो खाशेलो असो कांयच वांटो ना. हें घराणें आज 'असोळडेंकार' आडनांव लायता.

म्हार :

चाळीस वर्सां आदी आमोण्यांत म्हार जातीचे लोक रावनाशिल्ले. त्या काळार चंद्रवाडींत फकत कोठंबी गांवांतच म्हार जातीची लोकवस्ती आशिल्ली. गरज पडटा तेन्ना कोठंबी गांवच्यान एक म्हार घराणें आमोण्यांत येतालें आनी गांवची चाकरी करतालें. चंद्रेश्वर देवस्थानांत धोल वाजोवपाचे चाकरे बदला ताका 'म्हार–कुणगो' नांवाची शेत–जमीन आमोण्यांत सुटिल्ली आशिल्ली. फाटल्या कितल्यातरी वर्सांसाकून ती जमीन तें घराणें रोयना.

सद्यांक आमोण्यांत म्हार जातीचें एक घराणें रावता. चाळीस वर्सांफाटीं ह्या घराण्याचो पुरूस म्हणजे श्री. यशवंत पवार आपल्या कुंटुबासयत आमोण्यांत येवन स्थायीक जालो. आज तो ह्या संवसारांत ना पूण ताच्यो दोगी बायलो आनी तीन धुवो (धाकले बायले पासून जाल्ल्यो) आसात.

चामार, कुमार, म्हालो आनी मेस्त ह्या जातीचे लोक आमोण्यांत नात. पयलींय नाशिल्ले. कोठंबी गांवात रावपी म्हालो आनी चामार गांवची चाकरी करताले. शिरवयचो कुमार आनी आमोण्यांतलो मेस्त गांवाक जाय तीं आयदनां, आवतां पुरयताले.

सुरवातेक शिरवय गांवच्या देवूळमळ वाड्यार रावपी 'वेर्लेकार' आडनांवाचो एक शेट गांवाखातीर 'शेटपण' करतालो. उपरांत तो कांय काळ आमोण्यांत येवन रावलो. मागीर आमोणेच्यान तो कुसमण गांवांत वचून स्थायीक जालो.

चांदर गांवच्यान 'शिरोडकार' आडनांवाचो एक शेट मदल्या काळांत सुमार तिसेक वर्सां आमोण्यांत येवन वास्तव करून रावलो. पूण आमोणें सोडून परत चांदरा वचून रावल्यारच ताका आता वीस वर्सां जातलीं.ताच्या घराचे अवशेश आमोण्यांत पळोवंक मेळटात.

हालींच्या काळार मुळघुडी कट्यार शेटीचें एक घराणें येवन स्थायीक जाल्लें आसा.

आमोणें शेजारच्या शेळडें गांवांत आशिल्ले कापसाचे गिरणीक लागून महाराष्ट्र, कर्नाटक आनी भारतांतल्या हेर भागांतल्यान जायतीं कुटुंबां येवन आमोण्यांत रावलीं. तांतली कांय थंय स्थयीकय जाली. मड्डी वाड्यावयल्या जायत्या लोकांनी ताचे कडेन लग्न–संबंदय जोडले. कटो वाड्यावयल्या दत्तमंदिराचे पुजेखातीर आमोणेच्या भारद्वाज गोत्री भटान आपल्या 'गुर्जर' आडनांवाच्या साडवाक कट्यार हाडून दवरलो. फाटल्या धायेक वर्सांसाकून तो आमोण्यांत आसा.

बेळगांवच्यान आयिल्लें एक लिंगायत गवळी समाजाचें घराणें फाटल्या जायत्या वर्सांसाकून

गुळधुडी कटयार स्थायीक जाल्लें आसा.

आतागेरेन पळयल्यां ते प्रमाण आमोणें गांवच्या हिंदू समाजांतलीं वडान वड घराणीं पूर्वपरंपरागत सांकून चंद्रेश्वर देवस्थानाचे सेवेंत आशिल्लीं. पूण स्वातंत्र्या उपरांत नवेंसरकून देवाचे सेवेकरी आनी देवस्थान कमिटी हांचेमदीं चलपी वादाक लागून मुळावे सेवेकारी आज देवस्थानाचे सेवेंत नात्त. (कांय आडवाद आसात.) ते बदला देवस्थान कमिटीन आज वेगळे सेवेकारी नेमल्यात.

किरिस्तांव समाज

आमोणें गांवांत किरिस्तांव धर्माच्या लोकांची वस्ती ही हालींच्या चारशें –पांच शें वर्सांची. पोर्तुगेजांनी चलयल्ले बाटा–बाटीचे भकीक पडिल्ले आनी आपल्या मूळ स्थानार रावपाक थारो नाशिल्ले ते आद्य हिंदू भावच. आमोणें गांवांत बाटा–बाटी जावंक ना. दुसऱ्या गांवांनी किरिस्तांव जावनच ते लोक आमोण्यांत येवन स्थायीक जाल्यात.

गावडी जमात :

आमोणें गांवचो गांवकार (हिंदू) हो गावडी जमातीचो आशिल्ल्यान किरिस्तांव धर्मांचे लोक गांवांत येवन स्थायीक जाल्या उपरांत तांचें देव–देवस्पण आनी गांवकारपण सांबाळपाखातीर किरिस्तांव मुखेल्याची (तोवूय बी गावडी जमातीच्या घराण्याचो) गरज भासूंक लागली. देखून गांवच्या गांवकारान कवळे गांवच्यान बाटोवन किरिस्तांव केल्लो गावडी जमातीचो एक दादलो हाडून गांवात दवरलो आनी ताचेकडेन किरिस्तावांचें गांवकारपण सोपयलें. खुद्द आमोण्यांत आज जंय कपेल आसा, थंयच ताचें मूळ घर आशिल्लें. ताच्या घरामुखारच किरिस्तांवाचो खांब आशिल्लो. आज ह्या गांवकारान हिंदूचे वस्तेकुशीक वयल्या वाडयार नवें घर बांदलां.

हिंदू आसतना हो गांवकार कवळें गांवच्या 'बेताळाक' आपलो कुळदेव मानतालो. आजूय तो दर वर्सा, आपल्या कुळदेवाक नाल्ल–पड घेवन वचूंक विसरना.

ताचें घराणें 'फुर्ताद' आडनांव लायता.

हें गांवकार घराणें आयल्या उपरांत 'रोश' आडनांवाचें गावडी जमातीचें आनी एक घराणें आमोण्यांत येवन रावलें. उपरांत ह्या दोनय घराण्याचे लग्न संबंद जुळ्ळे. ह्या शिवाय आनी दोन गावडी जमातीचीं घराणीं गांवांत आयलीं. ह्या सगळ्यांनी खुद्द आमोण्यांतच वस्ती केली.

सुदीर :

आमोणें गांवांत सगळ्यांत पयली किरिस्तावांची वस्ती खुद्द आमोण्यांत जाली. ही वस्ती सुदीर जातीच्या लोकांची आशिल्ली. हे लोक मूळ हिंदू. बाटा–बाटीचे भकीक पडिल्ल्यान आपलो

मूळ गांव सोडून ते आमोण्यांत आयिल्ले. धर्म बाटिल्लो पूण अंतस्कर्ण बदल्लें नाशिल्लें देखून ताणीं हिंदूच्याच वाडयाकुशीक रावपाक आश्रय मागलो. आमोणेच्या हिंदुनींय तांकां आपलेंपण दाखयलें. गांवचे गांवकार, बंदे आनी मडवळ तर तांकां आजुनय आपले भावकेंतले मानतात. गांवांत फकत ह्याच किरिस्तांवांच्या दारांनी आजय शिगम्याचो मेळ नाचता. खुद्द आमोण्यांतल्याच हिंदुंच्या दारांनी किरिस्तांवांच्या इंत्रुजाचें 'रोमट' वता.

खुद्द आमोण्यांत वयल्या वाडयाकुशीक रावपी सुदिरांचीं घरां सगळींच चार. तांतली दोन 'रायचीं'. हिंदु आसतना हें घराणें थंयच्या 'कामाक्षीक' आपली कुळदेवी मानतालें. मूळ साश्ट तालुक्यांतल्या 'राय' गांवांत आशिल्ली ही कामाक्षी पोर्तुगेजांच्या बाटोवपाच्या भंयान तिच्या कुळाव्यानी व्हरून शिरोडें गांवांत दवरली.

तिसरें घराणें बोरयेचें. तांची कुळदेवी 'नवदुर्गा'.

चवथें घराणें रिवण गांवचें. तांचो कुळदेव 'विमलेश्वर'.

ह्या चारूय घराण्यांची जंय वस्ती आसा त्या जाग्याक 'किरिस्तांव वाडो' म्हण्टात.

हीं सुदीर घराणीं हिंदु आसतना, 'माडकापे' वा 'भंडारी' पणाचो धंदो करतालीं आशिल्ल्यान बाटल्या उपरांतय ताणीं माड कापपाचो म्हणजे सुर–सोरो काडपाचो आपलो पारंपारीक धंदो चालू दवरलो देखून तांकां 'रेंदेर' अशेंय म्हण्टात.

चाड्डे :

आमोणें गांवांत खुद्द आमोण्यांत रावपी 'चाड्डे' हे मुळचे हिंदु वाणी. तांकां 'शेटकार' म्हुणूनय वळखतात.

पोर्तुगेजांनी चलयल्ल्या बाटा–बाटीच्या भंयान कुडतरे गांवचे शांतादुर्गेचे कांय कुळावी देवतेक आनी थंयच्या हेर दैवतांक घेवन रातोरात पळळे आनी आमोणें गांवा शेजारच्या अवेडें गांवांत येवन रावले. पूण जे कुळावी कुडतरे गांवांत उरले ते पोर्तूगेजांच्या अत्याचारांतल्यान सुटले नात.

धर्मपरिवर्तन जाल्ले हे कुळावी उपरांत आपल्या कुळदेवीक आनी भाव–भावंडांक सोदीत अवेडें गांवांत आयले. आपल्या भावंडांच्या वस्तेकुशीक थोडें अंतर दवरून ताणीं वस्ती केली. तांतले कांय अवेडें गांवचे शिमेभितर उरले तर कांय आमोणें गांवांत पावले.

आमोणें गांवचे हे शेटकार म्हणजे आमोणें गांवचे शिमेभितर पाविल्ले, धर्मपरिवर्तन जाल्ले कुडतरचे शांतादुर्गेचे कुळावी.

हें घराणें 'फेर्नांदीश' आडनांव लायता. दर वर्सा देवतेच्या वर्सुकी जात्रेच्या उत्सवाक न चुकता हें घराणें आजय नाल्ल–पड घेवन वता.

मुळांतच वेपारी वृत्ती आंगांत आशिल्ल्यान आमोणें गांवांत स्थायीक जातकच ह्या घराण्यान

भाट-बेस घेवन धंदो सुरू केलो आनी 'भाटकार' जाले.

वयर सांगल्यांत त्या चाड्डे आनी सुदीर घराण्यांशिवाय हांगांच्या [illegible] आनीकय कांय घराणीं येवन गांवांत रावल्यांत. मुखेलपणान तांची वस्ती [illegible] आनी विठ्ठलामड्डी हांगा आसा.

आमोण्यांत रावपी चडांत चड सुदीरांचीं घराणीं [illegible]



आमोणें गांवांतल्यो जाती जमाती पळयल्या उपरांत एका काळार गांवची [illegible] चलताली हेंवूय पळोवप गरजेचें जावन आसा :

पोर्तुगेज गोंयांत येवचे पयलीं गोंयांत दोन तरेच्यो संस्था [illegible] 'गांवकारी' (कोमुनीदाद) आनी 'म्हाजनी'. ह्या दोनय संस्थाक पोर्तुगेजांच्या काळार [illegible]

'गांवकारी' म्हणजे गांवचे सुदारणेखातीर आनी मुखेल करून [illegible] घडयल्ल्यो संस्था. 'म्हाजनी' ह्यो धर्माकडेन संबंद आशिल्ल्यो संस्था. [illegible] बांदलीं वा जांचो अशा देवळांच्या मुळाकडेन संबंद आसा, अशेच लोक [illegible] म्हाजनीच्या वांगड्यांक 'म्हाजन' म्हण्टात जाल्यार गांवकारीचे वांगडी 'गांवकार'.[१०]

'म्हाजन' शब्दाची व्युत्पत्ती अशी मेळटा. म्हा+जन = म्हाजन. [illegible] मुखेल, व्हडलो. 'जन' म्हळ्यार व्यक्ती,मनीस. म्हणजेच म्हाजन म्हळ्यार [illegible] मानादीक व्यक्ती.[११]

ज्या लोकांनी गांवच्यो जमनी कसल्यो ते गांवचे 'गांवकार'. गांवचे [illegible] 'गांवकार' उतर वापरांत आयलें. उपरांत ताका जायते अर्थ आनी अधिकार [illegible] गांवची वसणूक केल्ली आशिल्ल्यान आनी गांवची शेत-बागायत ताच्याच नियंत्रणाखाला [illegible] आशिल्ल्यान आपसुकच गांवचेर ताचीच सत्ता आसताली.[१२]

गांवकारेंत जाका 'जण' मेळटा, तो 'जणकार'. गांवकारेचो व्याप वाडटकच चड हातांची गरज पडूंक लागली, त्यावेळार गांवकारान भायल्या शेतकारांक गांवांत आपोवन हाडले, ते [illegible] 'जणकार' जाले अशी माहिती मेळटा.[१३].

गावडी जमातीमदीं जशे 'गांवकार' आडनांवाचे लोक मेळटात, तेच भशेन भट, ब्राम्हण अनी खेत्री जातीमदींय 'गांवकार' आडनांव लावपाची चाल आसा. जायते फावट ह्या बिरुदाचे लोक आपलो आनी हेर जातीमदलो फरक दाखोवपाच्या उद्देशान आपल्या 'गांवकार' ह्या आडनांवामुखार आपल्या घराण्याची खाशेली पदवी लायतात. देखीक: प्रभूगांवकार = (प्रभू+गांवकार).

गांवकार घराण्याच्या कुटुंबांनी गांवाखातीर करपाचे सेवेप्रमाण तांकां पयलो वांगड, दुसरो वांगड तिसरो वांगड------- अशीं नांवां पडटालीं.[१४]एका गांवांत बारा लेगीत वांगड आसताले.

गांवकारांचे गांवसभेक 'गांवपण' म्हण्टाले.

एका काळार पुराय चंद्रवाडीची ग्रामवेवस्था 'गांवकारेच्या' (कोमुनदादीच्या) हातांत आशिल्ली हांतूत दुबाव ना. आमोणें गांवच्या शेजारच्या गांवांनी आजय गांवकारेच्या नांवान वळखुवपाक मेळपी शेत-जमनी आसात.

गोंयचीं चडशीं देवळां एकाच गांवाकडेनच संबंदीत आशिल्ल्यान तांची म्हाजनकी फकत गांवापुरतीच मर्यादीत आसताली पूण चंद्रनाथ पर्वतावयलें चंद्रेश्वर-भूतनाथ देवस्थान पुराय चंद्रवाडी म्हालाचें आशिल्ल्यान, पुराय म्हालाचेर एकूच म्हाजनकी अधिकार गाजयताली.[१५]

चंद्रेश्वर देवस्थानाच्या भरभराटीच्या काळांत चंद्रवाडी म्हालांतल्या म्हाजनकीचो जल्म जाल्लो आसूंक जाय.

आमोणें गांवच्या देव-देवस्पणाप्रमाण जरी चंद्रवाडीचे गांव 'बावीस' अशें मानतात आसलें तरी म्हाल-मंडळाप्रमाण चंद्रवाडी 'अठरा' गांवांची आशिल्ली.ते अठरा गांव अशें:

अवेडें	केपें	मळकर्णें
असोळडें	कोंठबी	मुळें
आमोणें	चायफी	शिरवय
आमोलें	चिकशेळवण	शेळडें
कुसमण	तळवडें	शेळवण
कुडचडें	पाड्डें	होडार

(मळकर्णें हें तरफ आसून तांतूत मळकर्णें, उदर्न, नागवें आनी झानोडें हे गांव आस्पावताले)[१६]

वयल्या अठरा गांवांपैकी 'आठ' गांव सत्ताधिकारी म्हणजे 'मताचें' आनी उरिल्ले 'धा' गांव 'मत नाशिल्लें'. मत आशिल्ल्या आठय गांवचे 'देसाय' आनी म्हालाचो एक 'नाडकर्णी' मेळून 'णव' जाणांचें म्हाल-मंडळ जातालें. हें म्हाल-मंडळ म्हालाचो कारभार पळयतालें. सुरवातेक ह्या म्हाल-मंडळांत 'मिराशी'य आसतल्याचें सांगतात.[१७]

म्हाल-मंडळांतले मताचे गांव अशें :

१) शेळडें
२) कुसमण
३) अवेडें
४) पाड्डें
५) कोठंबी
६) शेळवण
७) मुळें
८) असोळडें

१७८२ वर्सा जेन्ना पोर्तुगेजांनी पाददे आनी मुळे हे दोन गांव [illegible]
तांचें मत सकयल वचून सकयल्या नंबराक वयल्या मताची जागा घेतली.

'मत माशिल्ले' गांव अशे:

१) आमोणें
२) कुडचडें
३) गळकर्णें तरफ
४) तळवडें
५) शिरवय
६) चायफी
७) केपें
८) होडार
९) चिकशेळवण
१०) आगोलें

टीप :

प्रकरण : २ (आ)

१ – पूर्विल्ल्या काळार एक गांव सोडून दुसरो गांव वसोवंक वतना, त्या गांवचें शिंवेर मीठ पेरपाची चाल गावडी–नायक वा संबंदीत जाती–जमाती मदी आशिल्ली. अशेतरेन मीठ पेरप म्हणजे त्या गांवाकडेन आशिल्ले आपले संबंद तोडप. एकदां मीठ पेरलें म्हणटकच मागीर त्या गांवांत वचूंक जायना आनी गेल्यार लेगीत रातचें वस्तेक रावूंक जायना असो समज आशिल्लो.
२ – कोंबे कापप.
३ – तांदूळ
४– *The Cultural History of Goa : Anant R.S. Dhume, Pg.90.*
५ – पळयात गांवची हेर माहिती, अ– घरांची बांदावळ
६ – भारतीय संस्कृति कोश खंड – ३ पृ. ६०.
७ – भारतीय संस्कृतिकोश, खंड–३, पृ. ६०.
८ – पळयात पृ. २२ – २३.
९ – श्री. शांताराम जोशी, आमोणें, केपें–गोंय, हांच्या घराण्यांत प्रत आसा.
१० – *Hindu Temples and Deities: Rui Gomes Pereira Vol. I pg.1*
११ – *Hindu Temples and Deities: Rui Gomes Pereira Vol. I pg.1*
१२ – आजचा व कालचा गोमंतक, पृ. ३०२

१३ – आजचा व कालचा गोमंतक, पृ. ३०४
१४ – आजचा व कालचा गोमंतक, पृ. ३०३
१५ – गौरव ग्रंथ : श्री संस्थान चंद्रेश्वर भूतनाथ पारोडें, पृ. ७०.
१६ – गौरव ग्रंथ : श्री संस्थान चंद्रेश्वर भूतनाथ पारोडें, पृ. ७०.
१७ – गौरव ग्रंथ : श्री संस्थान चंद्रेश्वर भूतनाथ पारोडें, पृ. ७०.
१८ – गौरव ग्रंथ : श्री संस्थान चंद्रेश्वर भूतनाथ पारोडें, पृ. ७०.
१९ – गौरव ग्रंथ : श्री संस्थान चंद्रेश्वर भूतनाथ पारोडें, पृ. ७०.

३

अदृश्य शक्ती

अदृश्य आनी अजापांच्यो अश्यो कांय शक्ती ह्या मनशाच्या अनभवाक आयल्यो. तीं शक्तीक आदिमकाळासाकून गानीत आयल्या. गुण वैशिश्टांवयल्यान तांचें देव, देवचार आनी भूत अशें वर्गीकरण करुंक मेळटा.

अ. देव

सर्वसादारणपणान 'देव' हे शक्तीविशीं मनशाची जी कल्पना आसा तिची व्याख्या एका वाक्यात करप कठीण. 'देवचार' आनी 'भूत' ह्या दोनय शक्तींमदीं 'देव' ही शक्त चड बळिश्ट अशें मानतात.

देव ही शक्त सर्वगिन्यानी, सर्वश्रेष्ट. तिका कळना आनी खबर ना अशें ह्या संवसारांत कांयच ना. ह्या संवसाराची उत्पत्ती तिचेच कडल्यान जाल्या, एकाच वेळार आनी एकाच काळार ही शक्त कितलेय कडेन आसूंक शकता आनी एकाच वेळार सगळ्या संवसारार नदर दवरूंक शकता, जो उजू मार्गान चलून देवाची भक्ती करता ताका देव पावता आनी जो अनितीन चलता, ताका देव ख्यास्त करता असो समज आसा.

देव ही शक्त चिरतरूण. चिरसुंदर. तिका मरण ना पूण ती जल्म घेता आनी जाय तेन्ना आपलीं रूपां वा अवतार बदलता. ती सर्ग लोकांत रावता. मनशांसारके तिचेय घर-संवसार आसतात, भुरगीं-बाळां आसतात, देव आसतात, गुरु आसतात, राजा आसतात, राज्य आसता. दैत्य, असूर, दानव, राकेस, पिशाच्च हे देवाचे दुस्मान. किन्नर, गंधर्व, यक्ष, अप्सरा हे देव लोकांतले कलाकार. सुंदर, उंची वस्त्रा-अळंकार घालून देव सुंदर-सुंदर महालांनी रावतात अशें मानतात.

प्रत्येक देवाचें आपलें अशें खाशेलें शस्त्र-अस्त्र आसता, वाहन आसता आनी खाशेली जबाबदारी आसता. देखीक : ब्रह्मदेव जगाची उत्पत्ती करता, तो सदांच कमळार बसून आसता. विष्णु राखण करता, ताचे आसन शेशनाग जाल्यार वाहन गरुड. महादेव संहार करता. ताचें वाहन नंदी. इंद्र हो देवांचो राजा. वरुण पावस घालपी. अग्नी उज्याचो देव. सरस्वती विद्येची आनी गिन्यानाची देवता. तिचें वाहन मोर. ती ब्रह्मदेवाची बायल. लक्ष्मी गिरेस्तकायेची देवता. तिचें वाहन हत्ती. ती विष्णू देवाची बायल. पार्वती ही शक्ती देवता. तिचें वाहन वाग. ती महादेवाची बायल. महादेव हो देवांचो देव. अशे तरेकवार समज देव हे शक्तीविशीं लोकांच्या मनांत आसात.

धर्तरिचेर लोक देवांची देवळां बांदतात. प्रत्येक देवळांनी त्या त्या देवाच्या रुपा आनी

गुणाप्रमाण मुर्त्यो स्थापन करतात. तांची नेमान पुजा–व्रतां करतात. तांच्यो जात्रा–उत्सव मनयतात. प्रत्येक देवाचो खोशेलो 'वार' आसता.

मनशाचे जिणेकडेन देवांचो संबंद तीन तरेन येता. एक 'कुळदेव' म्हण, दुसरो 'ग्रामदेव' म्हण आनी तिसरो 'उपासना' वा 'इश्टदेव' म्हण.

कुळदेव :

कुळाच्या मुळाकडेन ज्या देवाचो संबंद आसता तो कुळदेव.

ग्रामदेव :

कूळ ज्या गांवांत रावता, त्या गांवचेर ज्या देवाचो अधिकार चलता, तो त्या कुळाचो ग्रामदेव.

ग्रामदेव बदलतात पूण कुळदेव तेच उरतात. जायते फावट धर्म बदल्लो तरी मनांतलो कुळदेवाचो जागो तसोच उरता. कांय लोकांचो कुळदेव आनी ग्रामदेव एकच आसता.

ग्रामदेव हो सदांच देवकुळयेंत जल्मल्लो आसता अशें ना. जायते फावट तो मनीसकुळयेंत जल्मल्लोय आसता. पूर्विल्ल्या काळार, गांवचे वसणुकेकडेन वा राखणेकडेन संबंद आशिल्लो एकाद्रो मनीस मरतकच, ताच्या कर्तुबांक लागून देवरूपाक पावतालो आनी गांवचो 'ग्रामदेव' जातालो. अशेतरेचे ग्रामदेव गोंयांत चड दिसतात. कांयवेळार तांकां 'ग्रामपुरुस' अशेंय म्हण्टात.

गांव वसता त्या वा हेर खंयच्याय म्हत्वाच्या वेळार, गांवांत वा गांवचे शिमेर, एकाद्रो फांतोर वा खुणेखातीर कितेंय चिन्न पुरिल्लें आसता. काळांतरान तें चिन्न गांवचें 'ग्रामदैवत' जाल्ल्याचीय माहिती मेळटा.

प्रत्येक कुळाचो एक 'कुळपुरुसय' आसता. कुळाच्या पयल्या पुरसाक हो कुळपुरसाचो जागो मेळटा.

जायते फावट कुळपुरूस आनी ग्रामपुरूस एकच आसता. अशा वेळार कुळपुरूसाचे मठयेकच देवळाचें रूप मेळिल्लें आसता. पयलींच्या काळार कुळपुरूस वा ग्रामपुरुस हांच्या नावाचे सादे फांतर स्थापन केल्ले आसताले. आज जायतेकडेन तांच्यो मुर्त्यो घडयल्ल्यो पळोवंक मेळटात.

कुळपुरसाच्या हातांतल्यान ताच्या कुळाची उत्पत्ती जाल्ली आसता. तो आपल्या वंशजाच्या उल्याक पावता आनी तांची राखण करता. तांची याद करूंक विसरत जाल्यार ताचें रागणेंय पडटा.

प्रत्येक कुळाचें एक 'कूळचिन्न' आसता. ह्या कूळचिन्नाकडेनय, त्या त्या कुळाच्यो भावना जोडिल्ल्यो आसतात. हें कुळचिन्न एकाद्री सजीव ना निर्जीव वस्त आसूं येता. आपल्या कुळाचें कुळचिन्न आशिल्लें झाड वा जनावर मारनात. आपल्या कुळाचीं चिन्नां आंगार 'पाडून' (गोंदून)

घेवपाची चाल जायत्या जाती-जमातींमदीं आसा.

प्रत्येक कुळाचो जसो कुळपुरूस आसता, तसो प्रत्येक घराचो 'घरपुरूस' आसता. नवें घर बांदल्या उपरांत घरांतलो जो पयलो 'पुरूस' (म्हालगडो) मरता तो त्या घराचो 'घरपुरूस' वा 'घरपुरीस' जाता. ताका निखटो 'पुरूस' अशीय म्हणटात. घरांतलो पयलो पुरूस मरतकच देवाची प्रसाद-पाकळी घेवन (उतर करून) ताका 'दामार'[1] बांदून, तो दाम हाडून घरांतल्या वडील देवा कुडींत पुजेक लायतात. त्या पुरसाफाटल्यान मरण आयिल्ल्या ताच्या वंशजांक [illegible] बांदून, ताच्या म्हऱ्यांत हाडून दवरतात. दर सणा-परबेक आनी उगाशी [illegible] पुरसाक [illegible] पुजा-नेवेद्य करतात.

घरांतल्या म्हालगड्या दादल्याशिवाय दुसऱ्या कोणेंच पुरसाक [illegible] आसा. हरशीं बायलांक पुरसाक हात लावपाचो अधिकार ना, पूण [illegible] पुरसाची पुजा करूंक शकता.

उपासना वा इश्ट देव :

ह्या देवाचो खंयच्याय कुळाकडेन वा गांवचे वसणुकेकडेन संबंद नासता तर व्यक्तीकडेन संबंद आसता. एकाद्र्या घरांत समजा पांच व्यक्ती गावता आसल्यो तर [illegible] उपासना देव वेग-वेगळे आसूं शकतात. दत्तात्रय, मारूती, संतोषी माँ, साईबाबा असल्या देवांक उपासना वा इश्टदेव म्हण मानतात.

आमोणें गांवचीं दैवतां

जल्मीदेव, खुंटीमाया, सांतेर, मुदेश्वर, ब्रह्मो, चंद्रेश्वर, भूतनाथ, सिद्धभैरांव, काळभैरांव आनी शंकभैरांव हीं आमोणें गांवचीं वा आमोणें गांवाकडेन संबंद आशिल्लीं मुखेल दैवतां. हिंदू इतक्याच भावार्तान गांवचे किरीस्तांव लोकय ह्या दैवतांक पुजतात. गांवांत देवळां दर एका संकश्टाच्या आनी बऱ्या-बास्कळाच्या वेळार तांकां उलो मारतात.

ह्या दैवतांपैकी खंयच्या दैवताक गांवांत म्हत्व चड हें सांगप कठीण. कारण गांवच्या प्रत्येक दैवताचें आपलें अशें खाशेलेंपण आसा, खाशेलें अशें म्हत्व आसा. शिवाय प्रत्येक दैवत, एकामेकांकडेन संबंदीतय आसा. हांतल्या एकट्याक लेगीत कडेन काडीत जाल्यार दैवतांची जी फास्की गांवच्यांनी तयार केल्ली आसा तिचो तोल वतलो.

गांवच्या दैवतांविशीं सविस्तर माहीती अशीं :

जल्मीदेव

'जल्मी' म्हळयार 'जल्म दिवपी' वा 'जल्माक घालपी'. गांव जल्माक घालतल्या वा

गांवची वसणूक करतल्या गांवच्या मूळ मनशाक 'जल्मी' म्हणपाची चाल पूर्विल्ल्या काळार गोंयांत आशिल्ली. गोयभायरय अशी चाल आशिल्ल्याची माहिती मेळटा. केरळ राज्यांत अशें 'जल्मी' आसात.[२]

'जल्मी' हो मनीस कुळयेंत जल्मल्लो आसता. आपले करणेन देवरूपाक पाविल्ल्यान ताचो जल्मीदेव जाल्लो आसता.

आमोणें गांवांत दोन जल्मीदेव आसात. म्हालजल्मी आनी शेटकारांचो जल्मी. ह्या शिवाय पर्वतावयलोय जल्मी आमोणें गावांकडेन संबंदीत आसा.

म्हालजल्मी हो आमोणेच्या गांवकार घराण्याचो मुळपुरूस. ताचो मठ खुद्द आमोण्यांत गांवकार वाड्यार आसा.

शेटकारांचो जल्मी हो शेटकार घराण्याचो मुळपुरूस. ताचो मठ आज मड्डीवाड्यार आसा.

पर्वतावेलो जल्मी हो पर्वतावयल्या नार्वेकार घराण्याचो मुळपुरूस. ताचो मठ चंद्रनाथ पर्वतार थळांत आसा.

म्हालजल्मी हो आमोणें गांवचो 'ग्रामदेव'. ताचो अधिकार पुराय गांवचेर उरता, जाल्यार हेर दोनय जल्म्यांचे अधिकार थारावीक वाठारापुरते मर्यादीत आसात.

म्हालजल्म्याक गांवचो 'ग्रामपुरुस' म्हुणुनय मानतात.

म्हाल जल्म्यान आमोणें गांवची वसणूक केली. पुराय चंद्रवाडींतली ही पयली वसणूक. देखून आमोणेच्या म्हालजल्म्याक चंद्रवाडीच्या बावीस गांवचो म्हालजल्मी म्हण मानतात. दर उमाशे–संक्रांतीक वा सणा–परबेक जेन्ना म्हाल जल्म्याक नेवेद्य दाखोवपाचो आसता तेन्ना ह्या बावीस गांवांच्या नांवाच्यो 'बावीस वाडयो' ताका दाखोवपाची चाल आजय आसा.

गोंयांत जायतेकडेन जल्म्याच्या घराण्याक 'जल्मी' ह्याच आडनांवान वळखतात. ह्या घराण्यांतले वंशज हे गांवच्या मुळपुरुसाचे वंशज जाल्ल्यान गांवासंबंदीत सगळें भौशीक देव–देवस्पण करपाचे अधिकार तांच्याच हातांत उरतात.

पर्वतावयल्या जल्म्यांचें देवस्पण करपी नार्वेकार घराण्यांतल्या पुरसाक (दादल्याक) 'जल्मी' म्हणपाची चाल आसा. मात म्हालजल्म्याचें आनी शेटकारांच्या जल्म्याचें देवस्पण करपी दादल्याक अनुक्रमान 'गांवकार' आनी 'शेटकार' अशेंच म्हण्टात. घडये तांच्या 'जल्मी' ह्या नांवापरसय, 'गांवकार' आनी 'शेटकार' हे मान गांवच्यांक चड म्हत्वाचे दिसले आसूंक जाय.

जल्म्याची परंपरा गावडी आनी नायक समाजामदींच मेळटा. म्हणजेच ज्या गांवची वसणूक ह्या दोन जातीमदल्या मनशाच्या हातान जाली त्या गांवांतच 'जल्मीदेव' मेळटात.

जल्म्याक 'पांच पानांचो विडो' वा 'पांच वातीचो दिवो' लावपाची आंगवण करतात. संकश्टाच्या वेळार 'नाल्ल' उखलासून दवरतात. कोंबो–बोकडो बळी दिवपाच्यो प्रथा जल्म्याक सामक्यो निशिध्द आसात.

म्हालजल्म्याचो मठ म्हणजे आमोण्यांतलें सगळयांत 'पयले घर'. आमोणें गांवांत येतकच

गांवकाराच्या पुर्वजान आपल्याक राखपाखातीर ती मठी बांदिल्ल्याचें सांगतात. उपरांत जल्मकान ताची त्याच घरांत स्थापना जाली आनी मागीर 'जल्म्याचो मठ' म्हण ताका देवळाचें रूप 'मान' जालें. ह्या मठांत आज जल्म्याच्या नांवाचो एक फातोर आनी ब्रह्म्याच्या नांवाची एक तिका पळोवंक मेळटा.

आमोणें गांवांत हिंदू वा किरिस्तांव दोनय समाजांतले लोक जल्म्याची मान केल्याशिवाय घरांत कसल्याच बऱ्या कार्याक सुरवात करनात. गांवचे लोक संकश्टाच्या वेळार जल्म्याक पावली उलो करतात.

गांवचो धिंणलो, शिगमो वा हेर कसल्याय भौशीक उत्सवाची / कार्यावळींची सुरवात म्हालजल्म्याच्या मांडावयल्यानच जाता.

आमोणेचे गांवकार, शेटकार वा पर्वतावयले नाईकार, हांच्या घरांनी पयलीं गणपती घरपुरसाची स्थापना केल्ली नासताली. तांच्या घरांतली कोणय व्यक्ती मयत जाल्यार तिका 'सोडोवन' हाडून तांच्या मठांतच दवरताले. आज मात हळू-हळू हे चाली मर्दी फरक पडत गेल्याचें दिश्टी पडटा.

फाटल्या वीस-पंचवीस वर्सांआदी लेगीत आमोणेच्या शेटकार घराण्यांतल्या वंशजांक आप-आपल्या घरांनी वेगळो गणपती पुजेक लावपाचो निरोप नाशिल्ल्याचें सांगतात. तांचो गणपती एकच आसतालो आनी तो मठांतच पुजेक लायताले. आज कांय वंशजांनी आप-आपल्या घरांनी वेग-वेगळो गणपती पुजेक लावपाक सुरवात केल्या. ह्या घराण्यांतल्या वंशजांक आपल्या घरांच्या दारांनी वेगळी तुळस (वृंदावन) बांदपाकय तांच्या पुरसाचो निरोप नासनालो खंय. आयज मात ह्या घराण्यांच्या खुबश्या वंशजांच्या दारांनी 'तुळस' दिश्टी पडटा.

खुंटीमाया

'खुंटी' हें उतर मूळ 'खूंट' ह्या उतरापासून घडलां. आज जेन्ना आमी खूंट/खुंटी उतरासंबंदान उलयतात तेन्ना आमचे नदरेमुखार लाकडाची एक बडी आसता जिचे एक तोंड मोठें आसता जाल्यार दुसरें तोंड तोंकाळ आसता. (ह्या तोंकाळ तोंडानच खूंट/खुंटी जमनींत पुरपाची आसता.) खूब पूर्विल्ल्या काळार म्हणजे पाशाणयुगांत वा पाशाणयुगाचो प्रभाव आशिल्ल्या काळार ह्यो खूंट/खुंटयो फांतराच्यो आसताल्यो हातूंत दुबाव ना.

पूर्विल्ल्या काळार नवो गांव वसयतना, त्या जाग्यार आपली आधिकार खूण दाखोवपाखातीर आनी गांवची शीम रेखपाच्या हेतून 'खूंटी' मारपाची चाल आशिल्ली. उपरांत गांवची राखण करपी ह्या भावार्तान तिका देवपण प्राप्त जातालें. आयज एकाद्री शीम रेखपाखातीर अशेतरेन खुंटयो वा फांतर पुरिल्ले दिश्टी पडटात. जायते फावट तांकां 'नीस' हें उतर वापरिल्लें दिसता.

गोंयांत जंय जंय 'खुंटीमायेचें' स्थान आसा, थंय थंय ती पाशाणी रूपांतच पळोवंक मेळटा. हाचेवयल्यान खुंटीमायेची परंपरा, पाशाणयुगांकडेन संबंद आशिल्ल्या काळांतलीच म्हणची पडटा.

गोंयांत खुंटयेची परंपरा, ही गावडी आनी नायक समाजाची. हेर समाजांतले लोक गांवचें ग्रामदैवत ह्या नात्यान तिका भजनता दिसतात.

आमोणें गांवाकडेन संबंद आशिल्ल्यो खुंटयो सगळयो 'स'. हांतल्यो पांच गांवांत आसात. जाल्यार एक चंद्रनाथ पर्वतार आसा. गांवांत आशिल्ल्या पांच खुंटयांमदली एक खुंटी 'म्हालखुंटी'.

गांवच्या खुंटयांच्या स्थापने संबंदान माहिती मेळटा ती अशी : आमोणें गांव वसयल्ल्या गांवकारांच्या पूर्वजान, आमोणें गांवांत (त्या वेळार रान आशिल्लें) रावपाचो निश्चेव करतकच आपल्या कुळदेवाक उलो करून, न्हंय हुंपतकच आपणें जमनीर 'जंय पयलें पावल दवरिल्लें' थंय एक खुंटी मारली आनी आपल्याक त्या जाग्यार रावपाखातीर राखण मागली. उपरांत गांवच्या चारूय दिकांनी, चार खुंटयो मारून गांवची शीम थारायली. खूंट मारून गांवच्या त्या म्हालपुरसान 'मठी जोडली'.[३]

आमोणें गांव वसतकच कांय तेंपान जेन्ना चंद्रनाथ पर्वतार वसणूक जाली तेन्ना थंय एके खूंटयेची स्थापना जाली.

गांवच्या म्हालपुरसान सगळयांत पयलीं जे खुंटयेची स्थापना केल्ली तिकाच आज 'म्हांलखुंटी' म्हणटात.

आमोणें गांवांतल्या पांचय खुंटयांची मांडणी पळयली जाल्यार गांवची शीम कशी बांदल्या ती कळटा.

१) म्हालखुंटी –पश्चिमेक
२) चायफ्यांतली खुंटी – उत्तरेक, चायफी आनी आमोणें गांवचे शिमेर.
३) भटांली खुंटी – पश्चिमेक, भटापाणट्यांचे धडेक.
४) वज्रेघुड्यावयली खुंटी – दक्षिणेक, कटोवाड्यार.
५) वागन्नांतली खुंटी – पुर्वेक, वागन्नांत.
६) पर्वतावयली खुंटी – चंद्रनाथ पर्वतार, थळांत.

गांवच्या चारूय शिमांचेर रावन, चारूय खुंटयो गांवची राखण करतात आनी रोग–पिडेक वा नश्ट्या कलमांक गांवांत भितरच सरूंक दिनात असो समज आसा. जर भितर सरलीच तर मागीर तांचो नास म्हालखुंटी करता अशें मानतात.

गांवच्या शिगम्यांक, खुंटयांची याद पयलीं करतात.

म्हालखुंटयेक नमन करी !
पांच खुंटयांक नमन करी !

अशें म्हुणून गांवच्या सवूय खुंटयांक नमन केल्या शिवाय गांवच्या शिगम्याक सुरवात करूंक मेळना. तशेंच होळये दिसा ह्या सवूय खुंटयांमुखार होळी पुरल्याशिवाय, गांवांत होळयेचो उत्सव सुरू करूंक जायना अशें मानतात.

आमोणेची म्हालखुंटी ही चंद्रवाडीच्या बाजीम गांवची म्हालखुंटी [illegible] जेन्ना आमोणेचे लोक खुंटयेक उलो करतात वा मागणतात तेन्ना ती उलो वा मागणें म्हालखुंटयेकय आसता.

खुंटये भोंवतणच्या वाठाराक 'खुंटयांत' अशें म्हणटात. थंय खुंटयेच्या [illegible] पाशाणी फांतोर जमनीर पुरिल्लो दिसता. म्हालखुंटयेक हालींच्या वर्सांनी [illegible] कुमटी बांदल्या.

आमोणें गांवांत जितल्यो खुंटयो आसात, तितल्योय 'काय्या' आकारांतल्यान आसात. गांवची सगळी भूतबाधा खुंटीगाया आपल्या पांयांपोंदा दांबून धरल्या काय्या आकार दवरला अशें समज आसा.

आमोणें गांवचे लोक खुंटयेक जाग्रत देवता मानतात. गांवार अदिकलें अरिष्ट निवारण करपाखातीर खुंटीगायेक 'गाराणें' घालपाची चाल आसा. मात हें गाराणें गांवच्या 'घर म्हाजनांच्या' उतरान गांवकारान घालचें पडटा. रोग–पिडेच्या वेळार तर गांवच्यांक सगळ्यांत पयलीं याद जाता ती खुंटयेची. आज म्हालखुंटयांत जावपी वर्साची चार 'म्हातनां' गांवार अदिकल्ली रोग–पिडा निवारण करपाच्या संदर्भांतल्यानच आयल्यांत.

खुंटयेक 'व्होट' सांगून घेतात तसोच पांच वातींचो दिवो आनी पांच पानांची विडी दिवपाचीय आंगवण करतात. गांवांत नव्यान लग्न जाल्ल्या जोडप्यान, जोडयेन वचून खुंटयेक व्होट दिवपाची चाल आसा.

खुंटयेचें देवस्पण करपाचो सगळो अधिकार गांवकाराक. तो मदतीं आयतारांचो खुंटयेंत दिवो लायता. तिचो दीस आयतार. तिका कितेंय मान करपाचो आसल्यार तो आयतारांचेच करतात.

खुंटयेच्या वाठांरांत कुकड–दुकर वचूंक जायना तशेंच भश्टे बायलेचे वारेय त्या वाठारांत पडूंक जायना. अशें घडत जाल्यार ती मागीर गांवचेर कोपता आनी मागीर गांवांत रोग–पिडा भिनून सरता असो समज आसा.

आमोण्यांतल्या खुंटयेची स्थापना जरी गावडी जमातीच्या हातांतल्यान जाली तरी तिका गांवचे भट–बामण समाजांतले लोकय मानतात. फकत हिंदूच न्हय तर गांवचे किरिस्तांव धर्मांचे लोक लेगीत तिची याद केल्याशिवाय घरांत कसल्याय बऱ्या कार्याक सुरवात करनात. गांवच्या दर म्हातनाक हिंदू लोक धाडटात तशीच नाल्ल–पड ते दितात आनी रातच्या प्रसादाक हाजीर रावन, देवतेक गाराणें घालपाच्या कार्यांत वांटेकार जातात.

सांतेर

कुडाळसाकून कारवारमेरेन सांतेरीचे देवूळ वा देवळी ना असो एकय गांव मेळतसो दिसना. सगळ्या गांवांनी तिची कसल्या ना कसल्या रूपान पुजा जाताच.[४]

सांतेर हें उतर 'सांतर' (बुराक आशिल्ले) ह्या संस्कृत उतरावयल्यान आयलां अशें मानतात.[५] सांतेर म्हणजेच 'रोयण'. ह्यो रोयणी जमनींतल्यान ल्हान दोंगरावरी वाडटात. जंय जंय

सांतेरीचें देवस्थान आसा, थंय थंय रोयणीची पुजा जाताच (जाताली). 'रोयण' हें उतर मूळ 'रोहण' ह्या उतरावयल्यान घडलां. रोहण म्हळ्यार दोंगर. गोंयांत अश्यो रोयणी (सांतेरी) कितल्यो आसात तांकां मीत ना. ह्या रोयणींक वेळा-वेळार शेड [illegible]ली ना जाल्यार त्यो सुमारा भायर वाडटात.[६]

गोंयांत जायत्या देवळांनी अश्यो शेड सारयिल्ल्यो रोयणी पळोवंक मेळटात. शिरगांव गांवांत, देवतेच्या आदिस्थानावर अशी शेड सारयिल्ली रोयण आसा.

सांतेरीच्या कांय देवस्थानांतल्यो रोयणी आज देवाचो कौल घेवन मोडून वडयल्यांत आनी थंय 'सांतेरीचे' वा 'शांतादुर्गेचे' मुर्तेची स्थापना केल्या. कांय जाग्यांनी रोयण आनी मुर्त दोनींचीय पुजा जाता. तशेंच कांयकडेन रोयणीकच 'मुखें' लायिल्लें आसता.

'शांतादुर्गा' हें सांतेरीचेंच सुदारीत रूप अशें जायत्या विद्वानांचें मत आसा. सांतेर ही मुळची शांततायेची देवी. 'सांतेर' हें तिचें शांतरूप. उपरांत ह्या शांतरूपान धर्तरिवयल्या दुश्टांचो आनी दैत्यांचो नाश करपाखातीर 'दुर्गेचें' (रुद्र रुप) घेतलें आनी तिची 'शांतादुर्गा' जाली असो समज आसा. सांतेर + दुर्गा = सांतादुर्गा > शांतादुर्गा.

सांतेरीविशींचो वयलो समज खरो आसूं, फट आसूं, एक गजाल मात खरी सांतेरीची मूर्त शांतरूपी दिसता जाल्यार शांतादुर्गेची रूद्ररूपी दिसता. शांतादुर्गेच्या उजव्या हातांत तरसाद आनी दाव्या हातांत राकेसाचें कापिल्लें मुंडकें दाखयतात. ती पायापोंदा दैत्याक माड्डिता. जायते फावट हो दैत्य रेड्याच्या रूपांत आसता.

गोंयांत मुळाक आशिल्ले 'सांतेर' परंपरेचेर उपरांत आयिल्या 'दुर्गा' परंपरेचो प्रभाव जावन, तांतूतल्यान 'शांतादुर्गा' परंपरा जल्माक आयली असोच तर्क एकंदर मेळपी माहितिचो आनी आदारांचो अभ्यास करून काडचो पडटा.

गोंयांत भुमका, भगवती, शितलादेवी, कालीका अश्यो देवता मेळटात. ह्यो देवता म्हणजे सांतेरीचीच रूपां मानतात. एकातेंपार ह्या सगळ्या देवस्थानांनी रोयणीचीच पुजा जाताली अशी माहिती मेळटा. ह्या देवतांचे कुळावे आजय रोयणी मोडपाक फाटी फुडें येतना दिसतात.

दुर्गा ही देवता मूळ त्रिहोत्रपूर वा तिरहूत ह्या प्रदेशांतली. जेन्ना थंयचे ब्राह्मण गोंयांत आयले तेन्ना ताणीं आपल्या बरोबर ते देवतेकय हाडली अशी माहीती मेळटा.[७]

भारतांत आर्य समाज पावचे पयलीं आर्येतर समाजाचें आस्तित्व आशिल्लें. वैदीक काळापासून स्मृतिकाळामेरेन जायते आर्येतर समाज आर्य समाजांत रिगून सांस्कृतिक नदरेन त्या समाजाकडेन समन्वयीत जाले. आर्येतरांच्या आचारांक आनी संकेतांकय वैदीक धर्मांत जागो मेळ्ळो. वैदीक उपासनेचेर आर्येतरांच्या संस्कृतीचो प्रभाव जालो. भारतांतली तंत्रपरंपरा ही तर आर्येतरांनीच निर्मिल्ली. हे तंत्रपरंपरेचो दुर्गोपासना वा शक्तीसाधनेकडेन अती घनिश्ट संबंद आशिल्लो अशी माहिती मेळटा.[८]

गोंयांत मेळपी सांतेर आनी शांतादुर्गेविशीच्या माहितीकडेन वयर दिल्ले माहितीचो मेळ घालीत जाल्यार तांतल्यान फुडलो निश्कर्श काडूंक मेळटा :

गोंयांत ब्राह्मण समाज पावचे पयलीं आशिल्लो समाज म्हणजे गावडी-नायक समाज. हो समाज सांतेरीक भजतालो. जेन्ना तिरहुतांतल्यान आयिल्ले ब्राह्मण गोंयांत पावले तेन्ना हळू हळू तांचो आनी गावडी-नायक जमातींचो सांस्कृतिक समन्वय जालो. हो समन्वय जातना, ब्राह्मणांनीं हाडिल्ले 'दुर्गा' परंपरेचो आनी मुळचे 'सांतेर' परंपरेचो समन्वय जालो आनी, त्यांतल्यान 'शांतादुर्गा' परंपरा उबेली आसतली.

दुर्गा, नवदुर्गा, शांतादुर्गा, जयदुर्गा, विजयदुर्गा, आर्यादुर्गा आनी भद्रादुर्गा अशीं दुर्गेचीं 'सात' नांवां मेळटात.

सांतेर आनी दुर्गा हांच्या समन्वयांतल्यान शांतादुर्गेची उत्पत्ती जाली, अशें मानपाक जरी आधार मेळटात, तरी जायते फावट त्या विशीं वेगळी कथा सांगतात. ती अशी :

हरी-हराच्या एका संग्राम प्रसंगार दोगांमदल्या कोणायकय जैत मेळपाची आशा दिसना जाली आनी तांच्या भयंकर शस्त्रास्त्रांच्या प्रभावाक लागून धर्तरेचेर प्रलय जावपाची भिरांत दिसूंक लागली. तेवेळार ह्या संवसाराचे राखणेखातीर ब्रह्मदेवान जगदंबेची प्रार्थना केली. तेन्ना देवी प्रसन्न जावन युध्दभुंयेर परगटली आनी तिणें हरी-हराक थंड केले. तेन्नाथावन ती देवी 'शांतादुर्गा' जाली.[१]

गावडी जमात ही मूळ सांतेरीक भजपी. तांच्या सांतेरी पुजनावयल्यानूच तांकां 'सतरकार' हें नांव जायते कडेन पडलें अशें सांगतात. (सांतेरकार=सतरकर). गावडी जमातीची फाटोफाट नायक जातीनय तांची परंपरा उखलून धल्ली अशे दिश्टी पडटा.[२] हाची जितीं-जिवीं देख मेळटा आमोणें गांवांत. हांगां गावडीजमातीच्या वस्तेचेरय सांतेर आसा आनी नायक जमातीच्या वस्तेचेरय सांतेर आसा.

गावडी लोक हें मुळचे शेतकार जाल्ल्यान आपल्या उदरांतल्यान नवीं नवीं बियां आनी रोपां जल्माक घालपी धर्तरेक ताणीं देवता मानप साहजीकच आसा. तिची निर्मितीची शक्त हेच तांचे नदरेंतल्यान तिचें देवपण जाल्यान , तिच्या उदरांतल्यान वयर येवपी 'रोयण' (सांतेर) हें तिचे शक्तीचे प्रतीक मानून, रोयण पूजा वा सांतेर पुजा जल्माक आयली आसूंक जाय.

आमोणें गांवाशिवाय, अवेडें, शेळडें, कुसमण, कोठंबी, शेळवण, ओसोळडे, पाड्डे, शिरदव, चायफी, केपें, चिक-शेळवण अशा चंद्रवाडीच्या हेर गांवांनीय सांतेरीचें देवस्थान आसा.

वयर सांगला ते प्रमाण आमोणें गांवांत सांतेरीचें देवस्थान दोनकडेन आसा. खुद्द आमोण्यांत गांवकार वाड्यार एक आनी मुळघुडी कट्यार एक.

ह्यो दोनय सांतेरी सैमीक अवस्थेतच आसात. थंय कसलीच देवळी वा मूर्त स्थापन केल्ली ना. ह्या दोनय जाग्यांची वेवस्थींत काळजी घेतली नाशिल्ल्यान आनी वता-पावसाच्या प्रभावाक लागून आज थंयचे रोयणीच्यो खुणोय अस्पश्ट जायत वचूंक लागल्यांत. भुंयसपाटेकडेन वळूंक लागिल्लीं मातयेची धडीं कशीं तीं आज पळयतल्याक दिसतात.

गांवचे गावडी आनी नायक ह्या दोनींय समाजांतले लोक घरांत रोयण आयल्यार सांतेरीची आपल्याचेर कृपा जाली अशें मानतात आनी त्यो रोयणी मोडनात. अशेतरेन घरांत रोयणी आशिल्लीं

निदान दोन–तीन तरी घरां आयज आमोणें गावांत पळोवंक मेळटात.

सांतेरीक 'सात तरेच्या' आनी 'सात रंगाच्या' फुलांच्यो 'सात माळी' घालपाची आंगवण करतात. संकश्टाच्या वेळार गांवचे लोक सांतेरीक उलो मारतात आनी विडो–व्होट सांगून घेतात.

खुद्द आमोण्यांतले सांतेरीक पुजा–नेवेद्य करपाचो आधिकार गांवकाराक, जाल्यार कट्यावयले सांतेरीचें देवस्पण करपाचो मान शेटकाराक.

आयज दोनय कडले सांतेरीक नित्याक पुजा जायना. फकत वर्साक एकदां शिगम्याकडेन, होळयेक उजो घालून पाणट्यार न्हावन आयले म्हण्टकच दोनय वाड्यावयले लोक आप–आपले सांतेरीकडेन वतात आनी गांवचे राखणेखातीर तिका गाराणें घालतात.

ब्रह्मो

'ब्रह्मो' म्हळ्यार थारावीक जाग्याकडेन वा कुळाकडेन संबंद आशिल्लो मूळ ब्राम्हण.

ब्रह्म्याक कांय गांवांनी, कांय समाजांतले लोक 'बरमो' वा 'बिरमो' अशेंय म्हणटात. पूण ब्रह्म्याची परंपरा ही मूळ भट–बामण समाजाची आशिल्ल्यान तांच्या समाजामदीं वापरांत आशिल्लें 'ब्रह्मो' हेंच उतर हांगां घेतलां.

'ब्रह्मो' ह्या उतराचें अपभ्रंश जावन ताचें 'बरमो' आनी 'बिरमो' जालां अशें मानतात. संस्कृत व्याकरण आनी भाषा विज्ञानाच्या अनुसार 'ब्रह्मो' वा 'ब्रह्मा' ह्या मूळ शब्दाचो अर्थ 'बृह' आसा. बृह म्हळ्यार 'आपल्या तोंडान रचना करपी, जाका वेद पुराणाचें गिन्यान आसा असो.'

ब्रह्म्याची परंपरा ही भट–बामणांची. म्हणजे जांकां वेद– पुराणांचें गिन्यान आसा अश्याच मनशांची. भट–बामणाचे हे संस्कृतीकडेन जेन्ना हेरांचो संबंद आयलो तेन्ना ताचें 'बरमो' वा 'बिरमो' जालें अशें मानतात.

ब्रह्म्याची स्थापना आमोणें गांवांत, खुंटी, जल्मी, सांतेर हांची स्थापना जाल्या उपरांत जाली. हे गजालीक गांवांत मेळपी जायत्यो आख्यायिका आदार दितात.

आमोणें गांवांत मेळपी ब्रह्मे सगळेच पांच. हांतले दोन ब्रह्मे हे भौशीक मालकेचे जाल्यार उरिल्ले तीन खाजगी मालकेचे. म्हणजे गांवच्या भटांच्या तिनय घराण्यांचे मालकेचो एक एक.

भौशीक मालकेच्या ब्रह्म्या मदलो एक ब्रह्मो गांवचो 'म्हालब्रह्मो.'

भौशीक मालकेच्या ब्रह्म्याविशीं :

१) म्हालब्रह्मो :

पुराय चंद्रवाडी महालाचो हो म्हालब्रह्मो. ह्या ब्रह्म्याची एक ल्हान देवळी मुळघुडी कट्यावयल्या चंद्रेश्वराच्या देवळाकुशीक न्हंयेचे धडेर आसा. हे देवळेंत मूर्त बी ना पूण एक व्हडली

रोयण वाडिल्ली आसा. ह्या जाग्यार ब्रह्म्याची अदृश्य शक्ती आसा अशी धारणा आसा. [illegible] रोयणींत रावपी सोरपाक ब्रह्म्याचे प्रतीक मानतात.

२) म्हालजल्म्याच्या मठांतलो ब्रह्मो :

खुद्द आमोण्यांत म्हालजल्म्याच्या मठांत ब्रह्मो आसा. ह्या जाग्यार एक [illegible] वाडिल्लीं आसा.

चंद्रनाथ पर्वतावयल्या, चंद्रेश्वर देवाच्या अवतरणाविशीं जी आख्यायिका मेळटा ती ह्या सांगिल्ल्या दोनय ब्रह्म्याची उत्पत्ती सांगता. ती आख्यायिका 'चंद्रेश्वर' ह्या [illegible] पुस्तकांत सविस्तरपणान येतली पूण तिचो सारांश असो:

आमोणें आनी ताच्या भोंवतणच्या वाठारांत एकदां खूब वर्सां पावस पडलो ना. तेन्ना त्या वाठारांतल्या ऋषीवनांत (आयचो रिवण गांव) रावपी ऋषी-मुनींक, होम हवनाखातीर लागपी दर्भ आनी हेर सामुग्री मेळना जाली. त्यावेळार त्या ऋषी-मुनींनी शंकराची आराधना करून ताका प्रसन्न करून घेतलो. तेन्ना शंकर पर्वतरूपान परगटलो. ऋषीवनांतल्यान त्या पर्वतार वचपाक भायर सरिल्ल्या ऋषी-मुनींनी पुरो जाले म्हण विसव घेवपाखातीर, वाटेर ह्या दोनय जाग्यांनी थांबून 'बस्का' मारली आनी मागीर फुडें ते पर्वतार वचपाक गेले.

ऋषी-मुनींनी विसव घेतिल्ले ते जागे म्हणजे 'ब्राह्मणांच्या स्पर्शान पवित्र जाल्ले जागे' म्हण उपरांत लोकांनी सांबाळून दवरले. त्या जाग्यांनी अदृश्य रितीन 'ब्रह्मो' रावता असो लोकांमदीं समज आसा.

खाजगी मालकेच्या ब्रह्म्याविशीं :

भारव्दाज गोत्री भटांचो एक, गौतम गोत्री भटांचो एक आनी वसिष्ट गोत्री भटांचो एक, अशें गांवांत तीन खाजगी ब्रह्मे मेळटात. हे ब्रह्मे म्हणजे, ह्या तिनय भटांच्या घराण्याचे 'मुळपुरूस'. तांची स्थापना तांच्या तांच्या घराकुशीक केल्ली आसा. गौतम आनी वसिष्ट ह्या दोनय गोत्री भटांचे ब्रह्मे, तांच्या घराकुशीक बांयकडेन आसात. जाल्यार भारव्दाज गोत्रीचो ब्रह्मो तांच्या घराफाटल्यान नागचाफ्याकडेन आसा.

गांवच्या लोकांक ब्रह्म्याक कितेंय आंगवण करपाची आसल्यार, ती भौशीक ब्रह्म्याकच आसता. भटांच्या ब्रह्म्याकडेन वचपाची तांकां मेकळीक नासता.

ब्रह्म्याचो दीस सोमार. ताका पांच वातिंचो दिवो, खावंच्या पानांचो विडो वा फळ (नाल्ल) दिवपाची आंगवण करतात. 'सुके सुरय तांदुळ' हो ब्रह्म्याचो खास नेवेद्य.

सोरपाक (नाग) ब्रह्म्याचें प्रतीक मानतात. ज्या जाग्यार ब्रह्म्याचें देवस्पण आसता थंय सोरोप आसताच. कितेंय चूक घडल्यार ब्रह्मो 'दाखलो' दाखयता. (सोरोप दिश्टी पडटा)

जांच्या घरांत ब्रह्म्याचें देवस्पण आसता तांगेर पौष म्हयन्यांत 'ब्राह्मण' वाडपाची चाल आसा. ब्राह्मणाक घरा आपोवन ताका एक वेळचें जेवण वाढून आनी नवें वस्त्र बी दिवन तृप्त करून धाडटात. हें जेवण चड करून तो ब्राहमण स्वताच रांदून जेवता. जेवाणाखातीर ताका लागता तो शिधो दिवपाचो आसता. कांयकडेन ब्रह्म्याची स्थापना केल्या जाग्यारच रांदून जेवपाची चाल आसा.

ब्राह्मण वाडपाची ही चाल मुळांत फकत भटां–बामणांगेरच आशिल्ली. उपरांत ती हेर जातींच्या घरांनी पावली. आपल्या घराण्याच्या मूळ ब्राह्मणाची याद करपाच्या आनी ताच्याकडल्यान आशिर्वाद मेळोवपाच्या हेतून, 'ब्राहमण वाडपाची' चाल भट–बामणांच्या घरांनी मुळाक सुरू जाली.

हेर जातींच्या घरांनी ही चाल कशी पावली, ह्या फाटल्यान वेगळीं कारणां मेळटात. देखीकः

आमोणें गांवांत भट–बामणांचें घर सोडून मडवळाच्या एकाच घरांत, अशेतरेन 'ब्राह्मण' वाडटात. हें विशी त्या घराण्याचे वंशज सांगतात की, तांच्या पूर्वजान ज्या वेळार थंय नवें घर बांदिल्लें, त्या वेळार थंय खूब रोयणी आशिल्ल्यो. घर बांदपाखातीर तांतल्यो काय रोयणी तांकां मोडच्यो पडल्यो. देखून ते रोयणींत रावपी सोरपान आपल्याक कांय त्रास करचे न्हय म्हण ताणीं घरांत ब्राह्मण वाडपाक सुरवात केली.

सर्वसादारणपणान सगळ्याच सोरपांक ब्राह्मण म्हणपाची चाल आसली तरीय सगळ्याच सोरपाकडेन (नाग) भावार्तान पळयनात. कारण सोरोप तीन प्रकारचे आसतात अशें मानतात. ते तीन प्रकार अशें :

देवस्थानाचे सोरोप :

शेङ्या सारके ल्हान आसतात. रंग हळडुवोच आसता. ताणीं चाबल्यार विशबाधा जायना. तांचो राबितो फकत देवळांत वा देवस्थानाच्या वाठारांत आसता. आपलो जागो सोडून ते दुसरेकडेन वचनात. तांच्या वाठारांत कितेंय भश्टपण घडल्यार ते दाखलो दाखयतात अशें मानतात. अशें घडल्यार देवस्थानाच्या मुखेल्याच्या उतरान तांचेकडेन चूक मागची लागता.

वाठाराचे सोरोप :

लांबे–रूंदेन व्हड आसतात. तांचो जागो थारिल्लो आसता. ते आपलो जागो सोडून दुसरेकडेन वचूंक शकनात. कितल्यातरी वर्सांसाकून ते त्या जाग्यार रावन, थंयच्या वाठाराची राखण करतात अशें मानतात. खूब वर्सां त्या वाठारांत राविल्ल्यान, थंयच्या मनशांची आनी जनावरांची तांकां वळख जाल्ली आसता. ते फकत रातचेच भायर सरतात. त्या वाठारांतल्या खूब पोरन्या अशा आंबो, वड, पिंपळ, रूमड बी झाडांच्या धोलींतच ते रावतात. आपल्या वाठारांतल्या कोणेय दुखयल्यार ते डंख धरनात असो समज आसा.

एकाद्रे घर निर्मनुष्य जालें वा गर्भीस रावना जावन मालगी भग्नाण जालें, [illegible] घरांतलो 'वास्तुपुरुस' सोरोप जावन, घंयच्या वास्तुधनांची राखण करता अशी घारणा आसा. जो मेरेन त्या घराचो वंशज वा नात्यांतलो लायक व्यक्ती घंय पावन, घंयच्या वास्तुचो वा धनाचो ताबो घेना, तो मेरेन ताका मुक्ती मेळना अशें मानतात. अशेतरेच्या सोरपाचोय वाठारांतल्या सोरपांनी आस्पाव जाता.

हेडगे सोरोप :

लांबी–रूंदेन आनी दिसपाक वाठाराच्या सोरपासारकेच दिसतात. मात ताचो जागो अमुक असो नासता, आज ह्या जाग्यार जाल्यार फाल्या त्या जाग्यार अशे ते हेडत आसतात. ते लोकांक पिडटात. चुकून लेगीत दुखवल्यार डंख धरतात.

मुदेश्वर

'मुदेश्वर' हें महादेवाचेंच एक नांव. महादेव हो तांत्रिक संस्कृतींतलो देव. ताका भूतगणाचो मुखेली मानतात. ताका शिव, शंकर, ईश्वर, ईशान अशींय नांवां आसात.

महादेवाच्या 'ईश्वर' ह्या नांवामुखार वा 'ईश्वर' उतरांतल्या मूळ 'ईश' ह्या धातूमुखार वेग–वेगळया संदर्भांतल्यान आनी प्रसंगांतल्यान वेग–वेगळीं विशेशणां जोडून तांका वेग–वेगळीं नांवां पडलीं. देखीक : मुदेश्वर, चंद्रेश्वर, महाबळेश्वर, महेश्वर, सप्तकोटेश्वर, कपिलेश्वर, वामनेश्वर, विमलेश्वर, नागेश, मंगेश बी.

ईश्वर हें उतर मूळ 'ईश' वा 'अश्' ह्या धातूपासून घडलां. ईश् म्हळ्यार स्वामीत्व करप, ताब्यांत दवरप, सत्ता चलोवप वा नियमन करप. अश् म्हळ्यार व्यापून रावप. ईश्वर म्हळ्यार स्वामी, सत्ताधीश. हो शब्द सामान्यपणान जगनियंतो, सृश्टी–स्थिती–प्रलयकर्तो, सर्वव्यापक, सर्वांतयामी आनी देवाधिदेव अशा अर्थान घेतात.[११]

ईश्वर शब्दाच्या इतिहासाचेर संशोधन करतना अशें दिसून येता की हो शब्द 'परमेश्वर' ह्या अर्थान खूब उसरां प्रचारांत आयलो. सुरवातेक ताचो उपेग 'राजा' वा 'शास्तो' ह्या अर्थान जातालो.[१२] ऋग्वेदांत 'ईश्वर' शब्द एकदांय आयिल्लो ना. मात ज्या 'ईश' धातुपासून तें उतर घडलां ताचो प्रयोग जायते फावट जाला. ईश्वर धातुपासून घडिल्लें दुसरें उतर म्हळ्यार 'ईशान'. ताचो अर्थ समर्थ वा स्वामी असो जाता आनी तो इंद्रादी देवांक उद्देशून वापरला.[१३]

शुक्लयजुर्वेद संहितेंत वा सामवेद संहितेंत 'ईश्वर' उतर मेळटा पूण तेंवय स्वामी, धनी ह्या अर्थान. मनुस्मृती आनी भगवद्‌गीतेंत मात 'परमेश्वर' ह्या अर्थान ईश्वर शब्दाचो प्रयोग जाल्लो आसा. पूण मुखावयल्या काळांत निर्माण जाल्लीं शैवपुराणां, कालिदास, बाणभट्ट ह्या कवींच्या काव्यांत ईश्वर उतर 'महेश्वर' ह्या अर्थान फकत शिवाकच उद्देशून आसा. सद्दयाक 'ईश्वर'

ह्या शब्दाचो उपेग 'शिव' ह्या अर्थान सर्वसादारणपणान दक्षिण भारतांतच करतात. हेरकडेन तें उतर सर्वसाक्षी, सर्वव्यापक परमेश्वर ह्याच अर्थान वापरतात[१४]

तांत्रिक धर्मांत शिवाक मुखेल स्थान आसा. तांत्रिक धर्माची रचनाच शिवाक लागून जाली अशे मानतात. तांत्रिक संस्कृती ही वैदीक संस्कृतीच्याकय खूब पोरनी. भारतांत मुळाक तांत्रिक परंपरा आशिल्ली, उपरांत वैदीक परंपरा रिगली हे विशीं फाटी माहिती आयल्याच. आज निवळ तांत्रिक संस्कृती वा निवळ वैदीक संस्कृती मेळप शक्य ना. आयचो हिंदूसमाज हो दोन संस्कृतीच्या समन्वयांतल्यान घडला.

ह्या समन्वयाच्या काळार 'वैदीक रुद्र' आनी 'तांत्रिक शिव' हांचें एकीकरण वा समन्वय जालो आनी ऋग्वेदांत जायत्या देवांक लागपी 'ईशान' हें विशेशण एकट्या शिवाकच प्राप्त जालें. उपरांत ह्या ईशान उतराचो जागो 'ईश्वर' ह्या उतरान घेतलो. शैव साहित्यांत फकत शिवाकच ईश्वर म्हण्टात अशेतरेची माहिती मेळटा.[१५]

शिवाच्या देवळांनी आसपी लिंगां वा लिंगपुजा ही तांत्रिक संस्कृतींतली अशें म्हणपाक जायते आदार मेळटात. भारतांत वैदीक संस्कृती रिगचे पयलीं आशिल्ल्या सिंधुसंस्कृतींत लिंगपुजा रूढ आशिल्ल्याचे पुरावे मेळटात. वैदीक आर्यांक ही लिंगपुजा सुरवातेक पसंत नाशिल्ल्याचीय माहिती मेळटा. वैदीक वाङ्मयांत तिचें खंयच वर्णन केल्लें मेळना.[१६]

तांत्रिक लोक मूळ दोन शक्तीक मानताले. एक 'शिव' दुसरी 'शक्ती'. म्हणजेच 'दादलो तत्व' आनी 'बायल तत्व'. कारण ह्या दोगांयच्या एकवटांतल्यान ह्या संवसाराची उत्पत्ती वा नवनिमिर्ती जाता.

ह्या संवसाराचे उत्पत्तेक कारण आशिल्लीं दादल्या–बायलेचीं जननेंद्रियां म्हणजे 'लिंग' आनी 'योनी' ते मानताले आनी तांतूतल्यानच 'लिंगपुजा' जल्माक आयली. सुरवातेक लिंग आनी योनी दोनींचीय पुजा वेग–वेगळीं केल्याचे पुरावेय मेळटात. 'सयोनी लिंगपुजा' वा 'पनेळी लिंगपुजा' उपरांत, म्हणजे मुर्तीकलेचो विकास जालो तेन्नासावन सूरू जाली आसूंक जाय. शणैगोंयबाबाच्या मताप्रमाण ही चाल गोंयांत क्रिस्ताच्या सातव्या शेंकड्या उपरांत रिगल्या आसूंक जाय. ह्या शेकड्याच्या मजगतीं चिनी भोंवडेकार हिवेन त्स्यंग हाणें काशीच्या देवळांत शंबर फूट उबार आशिल्ली महादेवाची तांब्याची मूर्त पळयली. त्या वेळार थंय आताच्या सारकें पनेळी लिंग नाशिल्लें. तें उपरांत थंय मांडलें, ताचीच देख गोंयांत पावली. १९२७ वर्सा मे म्हयन्यांत तांकां असोळडें गांवांत, थंयच्या श्री.शेळडेकार हांच्या घरालागसार आनी चांदरच्या इगर्जे लागसार दोन लिंगां दिश्टी पडलीं. असोळडेचें लिंग काळात्री फातराच्या चवकोनी पेडांत आनी चांदराचें लिंग तसल्याच फातराच्या खांब्यांत घडिल्लें दिसलें. दोनय लिंगांचे रूप सारकेच आशिल्लें. आनी तीं अडेचीं बसोवंक नात म्हणपाचें समजतालें. १९२७ वर्साच हरवळें गांवांत ब्राह्मी बरप आशिल्ले होंवरे मदलें लिंग चांदराच्या लिंगावरी काळात्री खांब्यांत, मदींच घडिल्लें दिसलें. तांच्या मताप्रमाण असली लिंगां गोंयांत आनिकय मेळूंक जाय आनी तीं सातव्या शेकड्यां आदलीं आसूंक जाय. चड पुर्विल्ल्या काळार तसलीं लिंगां कोंकणांत पुजताले म्हणपाची तीं गवाय जावन आसात. ही चाल श्वेताश्वतर उपनिशदांत वर्णिल्ले पनेळी वा जुळवणी लिंगा आदली हांतूत दुबाव ना.[१७]

मोहेंजोदडो आनी हडप्पा हांगाचे [illegible] सोदकामांतीन बरीक [illegible] पाशाणांच्यो जायत्यो मुतयो मेळळ्यो. त्यो मुतयो म्हणटेच बागत्रांच्या [illegible] प्रतिकां अशें विद्वानांचे मत आसा. त्याच जाग्यार अगणित पुरुषी लिंगाकृत्यो मेळ्ळ्यो. ''[illegible] त्या काळार लिंग आनी योनी दोनय वेग वेगळीं पुजतालीं म्हणपाचें कळटा.

मुर्तीकलेचो विकास जावंचे आदीं सगळीं लिंगां स्वयंभू आसतालीं म्हूण. लिंगाकृती सारको एकाद्रो लांबटसो फांतोर दिसलो जाल्यार शिवाचें दर्शन घडलें, ही भावना जायत्यांक दिसली आनी थंय देवाची स्थापना जाताली अशें दिसता.

आमोणें गांवांतल्या मुदेश्वराची स्थापना अशेच पद्धतीन जाल्ल्याची माहिती मेळटा.

गोंयच्या पुरातन शिव देवस्थानांचेर संशोधन केल्यार अशें दिसून येता की मुळाक त्या देवस्थानाचे कुळावी वा पुजारी गोंयच्या गावडी वा संबंदीत समाजाचेच लोक आशिल्ले, उपरांत देवाच्या थळांतराक लागून वा हेर कांय राजकीय वा शासकीय बदलांक लागून थंय हेर जातींची सत्ता रिगली.

आमोणें गांवांतलें मुदेश्वर देवस्थान गांवचे उत्तरेक म्हळ्यार, थायची आमोण्यां हे शिमेलागसार आसा. ज्या जाग्यार देवस्थान आसा. ताका 'खांबामळ' म्हण्टात. मात त्या जाग्यार देवूळ ना फकत एक स्वयंभू लिंग उबें आसा.

गांव वसतकच देव जायच, ही चाल जमेक धरली जाल्यार त्या काळार त्या देवस्थानाक कितलें म्हत्व आशिल्लें ही गजाल लक्षांत येता.

आमोणें गांवच्या गांवकारांच्या पूर्वजान मुदेश्वराची स्थापना केली पूण ताका वा ताच्या वंशजाक थंय देवूळ बांदप शक्य जालेंना. मात ताणें थंय एका खांबाची स्थापना केली. हो पाशाणी खांब, पुराय चंद्रवाडीचो 'म्हालखांब' अशें मानतात.

मुदेश्वर हो देव गांवचो 'मुळदेव' आशिल्ल्यान ताका तें नांव पडलें, असो गांवच्या लोकांचो समज आसा. पुण संस्कृतांत 'मुद्' म्हळ्यार हर्ष, सुख. म्हणजेच मुदेश्वर म्हळ्यार हर्ष वा सुख दिवपी देव.

सुरवातेक मुदेश्वर देवाची पुराय चंद्रवाडींत नामना आशिल्ली. उपरांत जेन्ना पर्वतार चंद्रेश्वर देवाची स्थापना जाली, थंयच्या देवस्थानाची भरभराट जावंक लागली तशी चंद्रेश्वर देवस्थानांत लोकांची यो-वच वाडली आनी मुदेश्वर देवस्थानाकडेन दुर्लक्ष जालें. हें दुर्लक्ष इतकें जालें की आज थंय गांवकार वर्सावळीचें कांय देवस्पण करपाक वता ही एक गजाल सोडल्यार, दुसरो कोणूच त्या वाठारांत फिरकना. गांवच्याक कसलीय आंगवण वा देवस्पण करपाचें आसल्यार, ती ते पर्वतार वचून चंद्रेश्वरदेवाक करतात. मुदेश्वराची मात कोणाकच याद जायना. एक उपेक्षीत देवस्थान कशें आज तांची अवतीकाय जाल्ली आसा. एका काळार 'कार्तिक पुनवेक' (त्रिपुरा पौर्णिमा) मुदेश्वरा मुखावयलो 'म्हालखांब' पेटयल्याशिवाय, चंद्रेश्वराच्या देवळामुखावयलो खांब पेटोवंक मेळनाशिल्लो. हो खांब पेटोवनच गांवचो 'वर्सकार' (गांवकार) बदलतालो.

गांवचे दर सणा-परबेक आनी उमाशे-संक्रांतीक गांवकार मुदेश्वराची पुजा करून 'वाडी'

दाखयता. ह्या शिवाय आनी थंय कांयच देवस्पण वा उत्सव जायना.

गांवकार घराण्याच्या एका वंशजान आपल्याक धंद्यांत बरीच बरकत जाली म्हण मुदेश्वराक देवूळ बांदपाची तयारी केल्ली. सुरवातेक ताणें थंय एक खोप बांदली आनी रोकडोच थंय तो चिऱ्यांचें देवूळ बांदपाचो आशिल्लो. इतक्यांत ताका ताच्या धंद्यांत खूब व्हडलें लुकसाण सोंसचें पडलें. तो सामको कंगाल जालो तेन्ना रागांन ताणें ते खोपीकच उजो घाल्ल्याचें सांगतात.

तेन्नाच्यान ताका वा ताच्या बायल–भुरग्यांक कोणाकच त्या वाठारांत वचूंक मेळना. गेल्यार थंयचो देव सोरपाच्या रूपान फाटीक लागता असो समज आसा. (घडये खोपीक उजो लायिल्लो तेन्ना थंयच्या वाठारांतलो तो सोरोप दुखवल्लो वा हुलपल्लो आसतलो आनी आजुनय तो डंख धरुन रावला आसतलो.)

चंद्रेश्वर–भूतनाथ आनी तीन भैरांव

चंद्रेश्वर, भूतनाथ, सिध्दभैरांव, काळभैरांव आनी शंकभैरांव हीं दैवतां आज साश्टी तालूक्यांतल्या पाड्डें गांवांत चंद्रनाथ पर्वतार आसात पूण तांचो केपें तालुक्यांतल्या आमोणें गांवाकडेन घट संबंद. पाड्डें गांवापरस ह्या दैवतांचेर आमोणें गांवचोच आधिकार चड आसा म्हळयार चूक जावंची ना. ह्या दैवतांक वेगळावन जर आमोणें गांवच्या लोक–संस्कृतीचो अभ्यास केलो तर तो परीपुर्ण जावंक पावचोना.

वयर सांगिल्ल्या दैवतांची उत्पत्ती, व्युत्पत्ती आनी तांचें एकमेकांकडलें नातें हाचेर उलोवंचे पयलीं, तांची मांडणी कशी आसा हे विशीं उलोवप चड समा जातलें.

कुडचडें – मडगांव महामार्गाक कुडचडेच्यान मडगांव वतना, पाड्डेचो बाजार काडल्या उपरांत , दाव्यान एक फांटो फुटला. हो फांटो थेट चंद्रनाथ पर्वताच्या मुळसांत वचपाक वता. चंद्रवाडींत 'चंद्रनाथ पर्वत' ह्या उतरापरसय 'पर्वत' हेंच उतर चड चालंत आसा. शणै गोंयबाबाच्या मताप्रमाण हें 'पर्वत' उतर मुळचें 'परवट' आसून, कोणा एका काळार लोकांनी तें आपल्या समजाप्रमाण शुध्द करून 'पर्वत' केलें आसूंक जाय. ना जाल्यार गोंयांत हाचेपरस उंचेले दोंगर आसूनय तांकां पर्वत म्हणनासतना, हाका एकट्याकच पर्वत म्हणपाचें कारण दिसना. तशेंच 'पारडें' वा 'पाड्डें' हे परवट उतरांचें बदलिल्लें रूप जावन आसा. 'तळवडें' हें अशेच तरेन 'तलवट' उतराचें बदलिल्लें रूप.[१९]

मुळसांत शंकभैरांवाचें एक ल्हानशेंच देवूळ आसा. देवळांत मूर्त ना पूण एक पाशाणी खांबो आसा, जाचेर उत्सवाच्या दिसा मुखें चडयतात. पर्वतार चंद्रेश्वराच्या दर्शनाक वचप्यान, पयलीं शंकरभैरांवाचें दर्शन घेवूंक जाय आनी मागीरच वयर वचूंक जाय अशी चाल आसा.

मुळसांतल्यान पर्वताच्या माथ्यार वचपाक पयलीं रस्तो नाशिल्लो, फकत एक पांयवाट आशिल्ली. हे पांयवाटेर मोठ–मोठे तळप आनी फांतर आशिल्ल्यान, ती चडून वयर वचपाक खूब कठीण जातालें. आज मुळस तें थळमेरेन सरकारान डांबरी रस्तो केला, वाटेर विजेच्या दिव्यांची सोय केल्या. उत्सवाच्या दिसांनी, मुळसांतल्यान थळमेरेन वचपाक बसी सुट्टात. तरी पूण कांय भावीक

गात गुद्दाग पांयवाटेन वयर वतात. पांयवाट चडल्याशिवाय पुण्य मेळना अशी तांची भावना आसा

मुळस ते चंद्रेश्वराचें देवूळ, हे मठीं वाटेर मेळपी लोकवेद म्हण्याचे जागे अशी ।

शंकभैरांवाचें दर्शन घेवन गाल्यो वयर गेली म्हणटकच लागता 'बाबाचें मठ'. श्री दत्ता पुरी बावा नांवाच्या एका साधू मनशान त्या जाग्यार कांय फळझाडां लावन तांच्या मदतीन चंद्रेश्वराच्या देवळांत दत्तजयंतीचो उत्सव सुरू केल्लो अशी माहिती मेळटा. उपरांत लागता 'माकड फोंडी' ह्या जाग्यार माकड खूब आशिल्ल्यान हें नांव पडलें. मागीर मेळटा 'आनंद'. उपरांत 'गडगड्या पायण'. हे पायणींतले फातर खूब गडगडटात, म्हण त्या जाग्याक गडगड्या पायण म्हण्टात. मागीर मेळटा, 'कुल्यां कांळ'. पावसांच्या दिसांनी ह्या कांळांत खूब कुल्यो मेळटात. उपरांत मेळटा 'खापुगामाली समाधी'. खापुगामाले समाधीकडेन पावना म्हळ्यार [illegible].

मुळस तें थळ ह्या मठलें अंतर सुमार दोन किलोमीटर आसा. हांगा 'जल्म्याचो मठ' आसा. ह्या मठांत जल्मी आनी तांच्या वंशावळीच्या पुरसांच्या नावांन कांय फातर पुजेक दवरिल्ले आसात. चंद्रेश्वर–भूतनाथाच्या तरंगांच्योय मुर्त्यो हांगा पुजेक लायिल्ल्यो आसात. वर्सांचीं [illegible] ह्याच मठांत जातात. चंद्रेश्वराच्या दर्शनाक वच्चे पयलीं, जल्म्याची भेट घेवपाकच जाय अशी चाल आसा.

जल्म्याच्या मठाच्या फुडें आसा 'सिध्दाची तळी'. जाग्रेदिसा हे तळयेंत भुरगें नासिल्ल्या जोडप्यान जोडयेन न्हायत जाल्यार तांगेर भुरगे जाता असो समज आसा. न्हावपी जोडयान तळयेंत बुडी मारून हाताक मेळटात तें वयर काडूंक जाय. जर तांकां फातोर मेळ्ळो तर तांगेर भुरगें जल्मतें आनी कट्टी मेळी जाल्यार तांच्या 'नशिबांत कट्टीच येतली' असो समज आसा.

ह्याच वाठारांत, 'कमंडूल तीर्थ' आसा. ह्या कमंडूल तीर्थाचें उदक चिडनच वयर वचूंक जाय असो समज आसा.

थळांत 'सिध्दभैरांव' आनी 'काळभैरांव' हांच्यो समोरासमोर अश्यो दोन देवळ्यो आसात. वयर वतना उजव्यान काळभैरांव जाल्यार दाव्यान सिध्दभैरांव आसा. सिध्दभैरांवाचें लिंग पावसाच्या दिसांनी उदकांत बुडटा. हें लिंग पळोवपाक भुयारांत कशें आसा. ह्या दोनय भैरांवाच्यो मुर्त्यो नात, लिंगां आसात.

ह्या शिवाय थळांत 'खुंटी' आनी 'वाग्रयाची घोल' आसा.

पर्वतार एकातेंपार एकशेंआठ तीर्थां आशिल्ल्याची माहिती मेळटा. हांतलीं शंबर तीर्थां आज गुप्त जाल्यांत असो समज आसा. आज फकत आठ तीर्थां मेळटात. तांचीं नावां अशीं :

१) कमंडूल तीर्थ
२) कपिल तीर्थ
३) गणेश तीर्थ
३) मुरलीधर तीर्थ
५) शुक्ल तीर्थ
६) सिध्दधार तीर्थ
७) चंद्रोदय तीर्थ
८) सुर्योदय तीर्थ

ह्या आठ तीर्थांशिवाय एकतेंपार पर्वतार आशिल्ल्या हेर तीर्थांमदल्या कांय तीर्थांची नांवां अशीं :

गौतम तीर्थ, सोम तीर्थ, भारव्दाज तीर्थ, सुशमिष्ठ तीर्थ, अंबष्ट तीर्थ, वसिष्ट तीर्थ, सौभ

तीर्थ आनी कामद तीर्थ.

आज पर्वतावयल्या ज्या तीर्थांची माहिती मेळटा, त्या तीर्थांच्या नांवांचो अभ्यास केल्यार, तीं नांवां थंय वैदीक संस्कृतीचो प्रभाव पडल्या उपरांतच घडलीं आसूंक जाय असो तर्क करूंक येता.

सिध्दभैरांव आनी काळभैरांव हांच्या देवळाकडल्यान वयर चडलें म्हण्टकच लागता 'केंकऱ्याची पायण'. कुमारजुवेच्या केंकरे घराण्यान हे पायणीचीं सोपणां चिऱ्यांनी बांदून दिल्लीं म्हण हें नांव. उपरांत मेळटा, 'गुरवाच्या पुरसाची देवळी' आनी तिच्या मात्शें मुखार गेलें म्हण्टकच दिसता 'रायबंदरकाराल्या पुरसाची देवळी'. रायबंदरच्या फट्टे घराण्याचो हो पुरूश. तो खंयच रावपाक तयार ना जालो देखून चंद्रेश्वराच्या पांयांकडेन हाडून ताका दवरला अशें सांगतात. ताचे वंशज दर वर्सा न चुकता पर्वतावयल्या चैत्रपुनवेच्या उत्सवाक येतात.

गुरवाच्या पुरसाचे देवळेंत फकत एक शिळा आसा. जाल्यार रायबंदरकाराल्या पुरसाचे देवळेंत रवळनाथ, बेताळ आनी सांतेर हांच्यो तीन मुर्त्यो आसात.

ह्या दोनय देवळ्यांकडल्यान वयर गेलो म्हण्टकच लागता उबी चडटी. ही निमाणी चडटी. ती 'शेज्यादारांत' सोंपता. शेज्यादाराकडेन पावचेपयलीं निमाणीं जीं पांच सोपणां मेळटात, तीं सोपणां केंसान झाडपाच्यो आंगवणी, आपले केस गळटात जाल्यार थांबपाखातीर बायलो करतात.

शेज्यादारांतल्यान भितर सरले म्हणटकच चंद्रेश्वर–भूतनाथाचें देवूळ नदरेक पडटा. चंद्रेश्वराच्या देवळाचो फुडो पुर्वेक आसा. ह्या देवळांच्या दाव्यान म्हणजे चंद्रेश्वराच्या दाव्या बाजूक, चंद्रेश्वराक फुडो करून भूतनाथाचें देवूळ आसा.

चंद्रेश्वराचें मूळ देवूळ भोज राजवटींत बांदिल्ल्याची माहिती मेळटा.[२०] आयच्या देवळाची गर्भकूड म्हणजेच पूर्विल्लें देवूळ अशें मानतात. ही बांदावळ पाशाणी फातरांची आसा. देवळाची उरिल्ली बांदावळ सोंदेकारांच्या राजवटींत बांदिल्ली अशी माहिती मेळटा. ही बांदावळ करतना, चंद्रवाडी महालांतल्या प्रत्येक गांवचे लोक आपखोशयेन वावुरिल्याचें सांगतात.

चंद्रेश्वराच्या देवळांत, म्हणजे गर्भकुडींत एक व्हडली शिळा वाडिल्ली आसा. तिचें माथ्यावयलें तोंक देवळाच्या घुडामेरेन पावलां. हे शिळेक 'चंद्रकांत (सोमकांत) शिळा' म्हण्टात. तिच्या आंगांतल्यान एकतरेचें द्रव्य झिरपता आनी ताचेर चंद्राची किरणां पडलीं तशें तें द्रव्य चकचकता, मागीर सगळी शिळाच चकचकतल्याचें भासता म्हण हें नांव पडलें अशें सांगतात. हे शिळेक लागून गर्भकुडीचो सगळो जागो आडावला. गर्भकुडीचे वण्टीभायरय ही शिळा पावल्या देखून देवळाच्यो सरवळ्यो अशीर जाल्यात.

हे चंद्रकांत शिळेच्या मुळांत, चंद्रेश्वराचें स्वयंभू लिंग आसा. लिंगा फाटल्यान थोडे उंचायेर चंद्रेश्वराचे मुर्तीची स्थापना केल्या. चंद्रेश्वराची मुर्ती बशिल्ले अवस्थेंत आसा आनी तिचे दावे मांडयेर 'पार्वती' बशिल्ली दाखयल्या.

चंद्रेश्वराच्या देवळांत सरवळ्यांत, फाटल्यान पार्वतीची एक मूर्त आसा. हे मुर्तींत पार्वती 'पारव्याचेर' बशिल्ली दाखयल्या. शिवाय चंद्रेश्वराच्या दाव्या हातीक सरवळ्यांत कांय मुर्ती दवरिल्ल्यो आसात. तातूंत नवदुर्गा, महादेव, विष्णु, गणपती आणि विरभद्र आसा. शिवाय

सप्तमातृका[21] आसात. ह्यो मुर्ती मूळ चंद्रपुरांतल्यो, पंचग्यान हाडून त्यो हांगा दवरल्याचें सांगतात. चंद्रेश्वराबरोबर ह्या सगळ्या देवांची नित्य पुजा जाता.

भूतनाथाचें देवूळ ल्हान आसा, ताका गर्भकूड वा वेगळी ना. देवळांत भूतनाथाची शिळा आसा. उत्सवा दिसा हे शिळेक मुर्ख्ये चडोवन न्हेसयतात. भूतनाथाची भेस ऐतिहासिक काळांतल्या राजा–सरदाराक, फावो अशीच आसता. आंगाक 'घोळणो', माथ्याक पगडी, कानाक कांडयें तंद, पांयांमेरेन लांब केंस, हातांत तरसाद असो ताचो भेस. ताचें वाहन 'वाग'. भूतनाथाच्या म्हऱ्यांतच ताची 'चिलीम' आनी त्रिशूळ' दवरिल्लें आसा. न्हेसयतकच भूतनाथाची मूर्त महाकाय दिसता.

भूतनाथ उजव्यान मात्सो बागवल्लो आसा आनी ताची नदर वरशी आसा. आर आपल्या जाग्यार उबे रावन चंद्रेश्वर– भूतनाथ एकमेकांकडेन उलयतात अशें मानतात आनी देवळांतल्यान भूतनाथची नदर वरशी आसा असो समज आसा. भूतनाथाची नदर चंद्रेश्वराचेर पडली म्हण. चंद्रेश्वराच्या देवळाचे वण्टीक कांय 'फुकटें' दवरिल्ले आसात. ह्या फुकट्यांतल्यान दोगांयचीय नदरा–नदर जाता आनी दोगीय एकमेकांकडेन संवाद करतात अशें मानतात.

भूतनाथाच्या देवळामुखार 'दरेचो फांतोर' आसा, ताचेर वर्सावळीची कोंब्याची 'दर' दितात. शिवाय 'फुडलें पुर्व' आनी 'फाटलें पुर्व' अशीं दोन पुर्वां आसात. फुडल्या पुर्वांत आयतार–बुधवाराक कोंबो मारतात जाल्यार फाटल्या पुर्वांत वर्साक एकदां मान्नी पुनवेक जोगण जाता. ह्या शिवाय पर्वतार 'दर्वो' आसा. दर्वो म्हळयार दर्यो. ह्या दर्यादिवाची स्थापना एके घुमटेंत केल्ली आसा. देवळाकडल्या तुळशीवृंदावनाकडेन सर्गेस्त वे. शा. सं. विनायक रघूनाथ भट जोशी हांणीं सुमार शंभर वर्सां आदी 'मारुतीची' स्थापना केल्ली मेळटा. ताच्या लागींच घा मनशांची वेंग पावचीना असो चंद्रमणी फांतोर आसा.

चंद्रेश्वराच्या देवळामुखार दिपस्तंभ आसा आनी एक 'चक्राचो–फांतोर' आसा. देवाची पालखी भायर काडटकच त्या चक्राच्या फांतरार नाल्ल फोडटात. पर्वतामाथ्यार एक 'गुप्तभांडार' आसा. त्या जाग्यार ऋषी–मुनी तपश्चर्येक बसतल्याचें सांगतात. देवळाकुशीक पिंपळाचें झाड आसा. त्या पिंपळाविशीं एक आख्यायीका सांगतात, ती अशी :

चंद्रेश्वर आनी भूतनाथ दोगीय देव एकदां उलवणीं करताले, इतक्यांत व्हडलो वारो सुटलो आनी पिंपळ सळसळूंक लागलो. ताका लागून देवांक एकमेकांची उलवणीं सारकीं आयकूंक येना जालीं, तेन्ना चंद्रेश्वरान पिंपळाक ताची सळसळ थोडो वेळ थांबोवपाचो आदेश दिलो. कांयवेळान देवांची उलवणीं करून सोंपलीं पूण पिंपळाक दिल्लो आदेश तो फाटीं घेवपाक विसरलो. तेन्नासाकून आजमेरेन पिंपळ सळसळपाचो थांबलो तो थांबलोच.

चाळीस वर्सां फाटीं पोरनो पिंपळ मरतकच थंय पिंपळाचो नवो रोंपो रोयलो पूण ताचीय सळसळ जायना अशें सांगतात. (ह्या फाटल्यान शास्त्रीय कारणां आसतलीं.)

गांवचे लोक संकशटाच्या वेळार चंद्रेश्वरदेवाक नाल्ल उखलासून दवरतात, फसलेचे पयले तांदूळ आपणें उश्टावंचे पयलीं चंद्रेश्वरदेवाक धाडपाची चाल आसा.

भूतनाथाक 'चिलीम' पेटोवपाची आंगवण करतात. ताका नित्याक एके पायलेचे खिचडेचो

नेवेद्य दाखयतात.

चंद्रेश्वर देवस्थानांतलीं देवकृत्यां[२२] :

१) अभिशेक
२) आवर्तन
३) फुलांचें ताट
४) तेलाभिशेक
५) जोत
६) शिवकवच पारायण
७) नाल्ल–पड
८) बेल, तुळस, कुकूम, अष्टगंध
९) ब्राह्मण – सवायशीण
१०) तुळाभार
११) चंडीपाठ
१२) व्होंवर न्हाण
१३) नेवेद्य अभिशेक
१४) एकादशणी
१५) व्होट–खण
१६) सहस्त्र बेल, तुळस, कुकूम
१७) प्रदोषपुजा
१८) खिचडी पडीची (एक किल्ल)
१९) खिचडी पायलेची (तीन किल्ल)
२०) नंदादीप (एक डबो गोडेल तेल)
२१) लघुरूद्र
२२) नवचंडी (सादी)
२३) पालखी
२४) नवचंडी (सपल्लवी)
२५) महारूद्र
२६) सोमार महापूजा
२७) काणूकः वस्ती, वस्त्र, रोख बी.

चंद्रेश्वर देव 'मागता', म्हणजे कोणायच्याय सपनांत, कोणायच्याय रूपान वचून ताचे मालकेची सजीव वा निर्जीव वस्त मागता अशें मानतात. अशेंतरेचें सपन पडत वा भास जायत जाल्यार खऱ्यानीच देवाची मागणी आसा काय ना, हें देवाचो कौल घेवन पळोवंचें पडटा. उपरांत ती वस्त देवळांत व्हरून आपल्या हातान तिचेर उदक सोडून देवाक अर्पीत करपाची आसता.

चंद्रेश्वर देवस्थानांत दोनकडेन देवाक प्रसाद लायतात. थळांत आनी मुळसांत. थळांत, जल्याच्या मठांत भूतनाथाचे मुर्तीक 'करमलाच्या पानांचो' प्रसाद लायतात. जाल्यार

शंकरभीरांवाच्या [illegible] 'पिटकोळीच्या [illegible]' [illegible] खाजगी प्रसाद जातात. ह्या शिवाय पर्वतार भूतनाथाचे [illegible] उगाणेच्या दुसऱ्या दिशा, पाइण्याक, चंद्रनाडीच्या [illegible] सेवेकऱ्यांचे राखणेखातीरय प्रसाद लायतात. ही प्रसाद [illegible]

चंद्रेश्वर देवस्थान म्हणजे 'प्रतिकाशी' अशें मानतात.

चंद्रनाथ पर्वतावयल्या देवळांची मांडणी कशी आसा, हे [illegible] व्युत्पत्तीकडेन वळया.

चंद्रेश्वर :

चंद्रेश्वर हें चंद्रनाथ पर्वतावयलें मुखेल देवत. ह्या देवताक [illegible] संबंदीत आसात. चंद्रेश्वर देवस्थाना इतलें कडलें देवस्थान [illegible] उत्पत्तेविशीं एक आख्यायिका मेळटा, तिचो उल्लेख [illegible] जालाच. ती आख्यायिका अशी:

आमोणेच्या गावडी जगातीच्या एक वंशजाक पर्वतार [illegible] दिसलें. थंय मागीर ताणें जागो निवळ केलो आनी नित्यनेमान [illegible] काळान त्या जाग्यार भोजराजान देवूळ बांदलें. ज्या मनशाक [illegible] पयलीं दर्शन जाल्लें, तो मेल्या उपरांत 'जर्मीदेव' जालो आनी [illegible]

चंद्रेश्वराविशीं आनी एक आख्यायीका गांवांत आयकूंक मेळटा आनी [illegible] जुळटा अशीच माहिती चंद्रचूड माहात्म्यांतय आसा, ती अशी :

चंद्रनाथ पर्वताच्या वाठारांत सुमार दोन हजार वर्सांआदीं मोठें संख्येन ऋषी–मुनी [illegible]. ज्या जाग्यार रूशी–मुनींचो राबितो अशिल्लो, त्या जाग्याक 'ऋषीवन' म्हणटाले. ह्या ऋषीवनाक आज 'रिवण गांव' म्हण वळखतात. ह्या वाठारांत व्हावपी 'कुशावती' न्हंयचे देगेर, ऋषी–मुनींक नित्य होम–हवनांखातीर लागपी 'कुश' नांवाचो दर्भ भरपूर जातालो, जाका लागून ऋषी–मुनींक यज्ञ–याग वेवस्थीत करूंक मेळटालो. ह्या दर्भावयल्यानच हे न्हंयेक 'कुशावती', म्हणजे 'कुश पसोवपी' वा 'कुश दिवपी' अशा अर्थाचें नांव पडलें, अशें सांगतात. (कुश + वती = कुशवती, कुशावती) ज्या जाग्यार हो दर्भ जातालो, त्या जाग्याक 'कुशवन' हें नांव पडलें. आज ह्या जाग्यार गांव वसला. त्या गांवाक 'कुसमण' म्हण्टात (कुशवन = कुसमण).

एकदां ह्या वाठारांत मोठें अवर्शण आयलें. कितकींतरी वर्सां, फाटोफाट सारको पावस पडलोनाशिल्ल्यान दुकोळ पडलो. ऋषी–मुनींक होम–हवनांखातीर लागपी दर्भ–सामुग्री वेवस्थीत मेळनाशिल्ल्यान ताच्या यज्ञांत आडखळी येवंक लागल्यो.तेन्ना ताणीं शंकराची उपासना करुन ताका प्रसन्न करूंन घेतलो, शंकर पर्वत रूपान प्रसन्न जालो. त्या पर्वतावयल्यान अखंड उदकाचे कितकेतरी झरे व्हावंक लागले. त्यावेळार रूशी – मुनींनी देवाची स्तुती करून ताका पर्वतरूपान थंयच रावपाखातीर विनंती केली. देव मागीर तांचे विनंतीक मान दिवन थंयच रावलो. शंकर थंय

रावल्या उपरांत ताचो मुखेल भैरांव, जाचे नांव 'भूतनाथ', तो थंय आयलो आनी देवाक कैलास पर्वतार परत वचपाखातीर आग्रो करपाक लागलो. शंकरान ताका सांगलें की आपूण हो पर्वत सोडून वचपाक शकना, आपल्या बरोबर तूय हांगा राव. तेन्ना भूतनाथ थंयच रावलो. उपरांत भूतगणांतले हेर तीन भैरांव म्हणजे, सिध्दभैरांव, काळभैरांव, आनी शंकरभैरांव हेवूय थंय येवन रावले. ऋषीमुनींनी जेन्ना पर्वत पळयलो तेन्ना ते खूब खूश जाले आनी पर्वतार वचपाक भायर सरले. वतना ताणें वाटेर दोन जाग्यांनी बस्का मारली, एक मुळघुडी कट्यार आनी दुसरी खुद्द आमोण्यांत. पर्वतार पावतकच ऋषी–मुनींक सोमकांत शिळा दिसली, हे शिळेक शंकराचे प्रतीक मानून ते थंय आपली होम–हवनां आनी तपश्चर्या करूंक लागले.

चंद्रेश्वरदेवस्थानाविशीं मेळपी एक इतीहासीक संदर्भ असो:

चवथ्या शतमानांत चंद्रवाडींत आपली राजधानी स्थापन करपी भोजराज देवराज गोमीन हो महादेवाचो भक्त आशिल्लो. ताणें आपल्या राजवाड्याच्या वाठारांत महादेवाचें एक देवूळ बांदलें आनी ताका चंद्रनाथ मंदीर अशें नांव दिलें.

ह्या भोज घराण्याचे सात–आठ ताम्रपट मेळटात, तांतल्या एका ताम्रपटावयल्यान अशें दिसून येता की, चवथ्या शतमानांतच देवराज नंतरचो राजा चंद्रवर्मा हाणें चंद्रनाथ पर्वतावयलें चंद्रेश्वराचें देवूळ बांदलें. 'चंद्रेश्वर–देव' आनी 'चंद्रनाथ–पर्वत' हीं नांवां भोजांचो दुसरो तक्ताधीस राजा चंद्रवर्मा हाणेंच दवरलीं.[२३]

चंद्रेश्वर देवाविशीं गांवांत मेळपी आख्यायिका, इतिहासीक संदर्भ आनी हेर माहितीचो आभ्यास करून फुडलो निश्कर्श काडूंक मेळटा :

सुमार चवथ्या शतमानांत वा ते आदी चंद्रवाडीच्या वाठारांत, पावस वेवस्थीत पडलो नाशिल्ल्यान दुकोळ पडलो आसतलो. झाडां–पेडां सगळीं सुकिल्ल्यान ऋषी–मुनींक होम–हवनांक लागपी दर्भ–सामुग्री वेवस्थीन मेळना जाली आसतली. अश्यावेळार त्या ऋषी–मुनींची नदर पांचवे हरयाळेन भरिल्ल्या पर्वतार गेली आसतली. अखंड व्हावपी कितक्या तरी झरींक (१०८ तीर्थां) लागून पावस पडलो ना तरी थंय सगळें पांचवेंचार आशिल्लें आनी असो हो पर्वत ऋषी–मुनींक जणू शंकराचेंच प्रतीक भासून ताणीं थंय प्रयाण केलें आसतलें. पर्वतार वतकच तांकां थंयच्या जल्म्यान स्थापन केल्लो देव आनी सोमकांत शिळा दिसली आसतली आनी मागीर त्या ऋषी–मुनींनी चंद्रेश्वरदेवाच्या सान्निध्यांत आपलीं होम–हवनां आनी तपश्चर्या चालू दवरली आसतली. कांय काळान भोजराजा चंद्रवर्माच्या हातान त्या देवस्थानाचो उध्दार जालो आसतलो, ताणें थंय देवूळ बी बांदलें आसतलें.

चंद्रेश्वर देवस्थानांत भोजवंशीयराजा पावंचे पयलीं ऋषीवनांत रावपी ऋषी–मुनी पाविल्ले आसूंक जाय. कारण गांवांत मेळपी आख्यायिकेंत वा चंद्रचूड महात्म्यांत ऋषी–मुनींक थंय सोमकांत शिळा दिशिल्याचें वर्णन मेळटा, पूण देवूळ दिशिल्याचें वर्णन मेळना. दुसरें म्हळ्यार, रूशी–मुनी पाविल्ल्यानच त्या क्षेत्राक चड म्हत्व प्राप्त जालें आसतलें आनी राजा चंद्रवर्माची नदर थंय गेली आसतली. आमोणें गांवांत मेळपी ब्रह्म्याचे दोन जागे, ऋषी–मुनी पर्वतार वचूंक गेल्याची गवाय जावन आसात.

गांवांत मेळपी आख्यायिकेंत आनी चंद्रचूड माहात्म्यांत वर्णन केल्लें तें अशें. ऋषी-मुनींनी अवर्शण काळार, शंकराक प्रसन्न करून घेतलो आनी शंकरान पर्वतकड्यान उदक व्हांवत, सदांच रावपाचें वचन दिलें. ह्यो गजाली म्हणजे पुराणकारांनी वा गांवच्या मानयेल्यांनी खरे वस्तुस्थितीक चडयल्लो दैवी चमत्काराचो अळंकार म्हणचे पडटलें.

आज आमोणें गांवांत मेळपी, भारव्दाज, वशिष्ट आनी गौतम गोत्री भटांची घराणीं म्हणजे, पर्वतार गेल्या ऋषी-मुनींपैकी कांय जाणांचे वंशज आसूंक जाय. [illegible] हीं [illegible] घराणीं वांगडाच आयिल्ल्याची जी माहिती मेळटा, त्या फाटल्यान हेंच कारण आसतलें. [illegible] कुटुंबांतील आपल्या घरांतलें देवस्पण पळोवपाखातीर भटांक गांवांत हाडले, अशी जी गांवच्या कांय लोकांची समज आसा, तोवय फट म्हणपाचे हांगा जाणवता.

वयर सांगिल्ल्या तिनय गोत्री ऋषी-मुनी शिवाय, पर्वतार आनीकय गोत्री ऋषी-मुनी गेले ही गजाल निश्चित. ह्या विधानाक आदार मेळटा, पर्वतार मेळपी तीर्थांच्या नांवांनी. पर्वतार आशिल्ल्या १०८ तीर्थांगदल्या फकत कांय तीर्थांची नांवां आज मेळटात. तांतून वयल्या तिनय गोत्रांच्या नावांचो आस्पाव आसा, शिवाय ब्राह्मणाच्या हेर कांय गोत्रांच्या नांवांचो आस्पाव आसा. हाचे वयल्यान त्या तीर्थांक तीं नांवां, त्या त्या ऋषी-मुनींचो तांचेकडल्यान संबंद आशिल्ल्यान पडलीं अशें दिसता.

आमोण्यांत मेळपी भारव्दाज, वशिष्ट आनी गौतम ही तिनय गोत्री घराणीं, म्हणजे पर्वतार गेल्या त्या त्या गोत्री ऋषी–मुनींचे वंशज अशें मानलें जाल्यार, हेरांचे किते जालें ? असो एक प्रस्न उप्रासता. घडये ते पर्वत क्षेत्र सोडून दुसरेकडेन गेल्ले आसतले वा वंशवृद्धी करनासतना तांणीं समाधी घेतली आसतली अशीय शक्यता आसा.

चंद्रनाथ पर्वताशिवाय, चंद्रवाडींत आनीक तिनकडेन चंद्रेश्वर देवस्थानां आसात. तीं अशीं :

१) आमोणे गांवांत कटो वाड्यार चंद्रेश्वराचें देवस्थान आसा. ह्या देवस्थानाक 'चंद्रेश्वराचें मुळघुडी देवस्थान' म्हण वळखतात. ह्या देवस्थानांत चंद्रेश्वराचे मुर्तीची स्थापना केल्ली ना, फकत एक घुडी पुजेक लायिल्ली आसा.

२) चंद्रेश्वराचें आनी एक देवस्थान आसा, पाड्डें गांवांत. पाड्डे गांवच्या मुखेल बसस्टॉपालागीं. ह्या देवळाक 'दर्शना देवूळ' म्हण्टात. चंद्रेश्वराचें नित्य दर्शन घडचे ह्या हेतान पाड्डें गांवच्या बामणांनी (सारस्वत समाजांतल्या लोकांनी) थंय चंद्रेश्वराची स्थापना केली अशें सांगतात.

ह्या पाड्डें गांवांत, देसायवाड्याकडले शेतवडींत मुदेश्वराचें एक देवूळ आसा. ह्या देवळांत, चंद्रेश्वर आनी भूतनाथाची स्थापना केल्ली आसा. हो चंद्रेश्वर–भूतनाथ सांगे तालुक्यांतल्या वेर्ले गांवच्यान येवन थंय राविल्ल्याचें सांगतात.

गोंयांत, मठग्राम (मडगांव) आनी कुशस्थळ (कुट्ठाळी) ह्या दोन गांवांनी एकाकाळार चंद्रनाथ देवस्थानां आशिल्ल्याची माहिती मेळटा. आज ह्या दोनय जाग्यांनी हो देव ना. शिवाय थंयचे हेर देव थळांतर करून ज्या गांवांनी गेले थंयूय बी 'चंद्रेश्वर' वा 'चंद्रनाथ' ह्या नांवान नेटयी

देव मेळनात.

श्री ना. भा. नायक हांच्या एका लेखांत, मठग्रामांतलो चंद्रनाथ आज जांबावले गांवांत, 'रामनाथ' ह्या नांवान आसा. ताचें देवूळ श्री दामोदर–लक्ष्मी नारायणाच्या दाव्यान (देवळाच्या) आसा अशी माहिती मेळटा.[२४] विनायक ना. शेणवी धुमे आपल्या 'देवभूमी गोमंतक' ह्या पुस्तकांत माहिती दितात की पूर्विल्ल्या काळार कुशस्थळांत आशिल्लो चंद्रनाथ (चांदिरनाथ) हो देव आज श्री मंगेश देवस्थानांत 'श्री लक्ष्मीनारायण' ह्या नांवान आसा.[२५]

चंद्रनाथ पर्वताशिवाय सद्याक गोंयांत, चंद्रेश्वराचीं दोनकडेन देवळां मेळटात : एक सांगें तालुक्यांतल्या विचुंद्रे गांवांत, दुसरें सांखळी तालुक्यांतल्या कोठंबी गांवांत.

कांय जाण चंद्रेश्वर ह्या उतराचो अर्थ माथ्यार 'चंद्र' धरिल्लो 'ईश्वर' असो करतात. जाल्यार कांय जाणांचे मतीन, चंद्रेश्वर हे नांव मुळच्या कोलांच्या दैवताक भोजांच्या चंद्रवंशावयल्यान संयोजीत केलें. म्हणजे चंद्रवंशीयांचो ईश्वर तो चंद्रेश्वर. ह्या देवाचो सह्याद्रीखंडात 'चंद्रचूड' अशा नांवान उल्लेख मेळटा. चूड/चूडा ह्या संस्कृत शब्दाचो अर्थ 'शिखा' असो जाता. शिखा म्हळ्यार जटा, कॆंस. जाचे शिखेंत चंद्र आसा तो चंद्रचूड, म्हणजेच शिव–शंकर असो चंद्रचूड ह्या उतरांचो अर्थ जाता.[२६]

शिवाचे जटयेंत जेन्ना चंद्रकोर आसता तेन्ना ताका 'चंद्रशेखर' अशेंय म्हणटात. चंद्रशेखराच्यो तीन प्रकारच्यो मुत्यो मेळटात, त्यो अश्यो : १) फकत चंद्रशेखर २) उमेसयत चंद्रशेखर आनी ३) अलिंगन चंद्रशेखर. पयल्या शिल्पांत शिव एकटोच आसता, दुसऱ्यांत ताच्या शेजारा उमा आसता, जाल्यार तिसऱ्यांत ताणें उमेक वेंगयिल्ली दिसता.[२७]

चंद्रेश्वर हें नांव मूळ 'चंद्रशेखर' उतरावयल्यान घडलां आसूं येता, असोय एक विचार उक्तायतात. चंद्रनाथ पर्वतावयली चंद्रशश्वराची मूर्त वयर उल्लेखिल्ल्या चंद्रशेखरांच्या तीन शिल्पां मदल्या दुसऱ्या शिल्पाप्रमाण आसा. चंद्रेश्वराच्या शेजरा म्हणजे ताचे मांडयेर उमा बशिल्ली दाखयल्या. पूर्विल्या काळार चंद्रेश्वराक 'अव्वेश्वर' वा 'अंबेश्वर' ह्या नावांन वळखतल्याचीय माहिती मेळटा.[२८]

भूतनाथ आनी तीन भैरांव :

चंद्रेश्वरा फाटोफाट चंद्रवाडींत मान आसा भूतनाथाक. चंद्रेश्वर आनी भूतनाथ हांचीं दोगांयचीं नांवां बरोबर घेवपाची हांगां चाल आसा. दसऱ्याक दोगांयचीं तरंगां आसतात. दसऱ्याक तशेंच शिगम्याक दोगांयचेय अंवसर येतात.

भूतनाथाक चंद्रेश्वराच्या भैरांवगणांचो मुखेली मानतात. चंद्रेश्वर पर्वतार येवन रावल्या उपरांत तो थंय येवन रावलो आनी तो थंय येवन रावल्या उपरांत तांचे तीग भैरांव म्हणजे सिध्दभैरांव, काळभैरांव आनी शंकभैरांव थंय येवन रावले अशें मानतात.

भैरांव हें शिवाचेंच एक रूप अशें कांय जाण मानतात, तर कांय जाणांच्या मतान भैरांव हो

शिवगणांचो मुखेली.

शैव आगमनांत भैरांवाचे चौसश्ट प्रकार सांगल्यात. आठ भैरांवांचो एक ह्या प्रमाण ताचे आठ वर्ग जातात. तंत्रग्रंथांत चौसश्ट भैरवांक, चौसश्ट योगिनींचे स्वामी मानल्यात. [illegible] [illegible] शिवोरुपी देव म्हण भैरांवाची पुजा जाता. महाराश्ट्रांत ग्रामदेव म्हूण भैरवाक मानतात. थंय ताका 'भैरोबा' वा 'बहिरोबा' म्हणटात. थंय केन्ना ताची मूर्त आसता, तर केन्ना ताचो तांदळो.[९] [illegible] मूर्त आसली तर ती सदांच उबी आसता. तिच्या उजव्या हातांत डमरू आनी डाव्या हातांत त्रिशूळ आसता. कमराक सोरोप गुंडाळायिल्लो आसता. काळो कुत्रो भैरांवाचें वाहन. [illegible] [illegible] [illegible] करतना भैरांव घोड्यार बसून वता, तरी पूण ताच्या बरोबर काळो कुत्रो आसताच अशें मानतात. भूतबाधा वा सर्पदंश जाल्यार भैरांवाची आराधना करतात. राजस्थानांत प्रत्येक गांवांत भैरांव हें दैवत आसताच. थंय ताची स्थापना शमीवृक्षाखाला केल्ली आसता. थंय तो काळोभैरांव आनी गोरोभैरांव ह्या दोन नांवांनी मेळटा. थंय कांयकडेन ताची मूर्त आसता तर कांयकडेन ताचो तांदळो आसता.[१०]

तंत्रग्रंथांत जरी भैरांवांचो योगिनींकडेन संबंद दाखयला तरी चंद्रनाथ पर्वतावयल्या भैरांवांसंबंदीत अशी माहिती मेळना.

सिध्दभैरांव, काळभैरांव आनी शंकभैरांव हांच्याशिवाय बटुकभैरांव, मार्तंडभैरांव, पांचालभैरांव, बाळभैरांव, गोरोभैरांव, काळोभैरांव, आनी तोळभैरांव अशीं भैरांवांचीं कांय नांवां मेळटात.[११]

भूतनाथाचे देवस्थान गोंयांत, चंद्रनाथ पर्वताशिवाय पेडणे आनी दिवचल तालुक्यांत मेळटा. दिवचल तालुक्यांतल्या आमोणें गांवांत भूतनाथ 'बोंदरेर' आसा. थंय तो [illegible] [illegible] [illegible] सांगतात. ह्या गांवचें सगळें देवस्पण भूतनाथाच्या पायांकडेन येवन सोपता, अशें मानतात.

फोंडें तालुक्यांतल्या बोरये गांवांत, एकाकाळार भूतनाथाचे देवस्थान आशिल्ल्याचें सांगतात. आज थंय देवूळ वा देवाची मूर्त बी कांयच ना, मात लोकांनी तो जागो राखून दवरला. भूतनाथ मूळ बोरये गांवचो, आनी तो बोरयेच्यान पर्वतार वचून रावलो असो कांय जाण दुबाव उक्तायतात. ह्या कारणाक लागूनच बोरये गांवचे लोक चंद्रेश्वराच्या दर्शनाक गेल्यार तांणी मुख्य दरवाज्यांतल्यान भितर सरूंक जायना असो समज आसा.

गोंयांत फकत सिध्दभैरांव, काळभैरांव, आनी शंकभैरांव हे तीग भैरांव मेळटात. हे तिगूय भंयकर शक्तिमान अशें मानतात.

'भैरांव' म्हणजे जाका पळोवन सगळे भंय रावता वा पळटा असो देव, असो समज आसा. पर्वतार मेळपी तिगांय भैरांवांक वेग–वेगळीं नांवां आसलीं, तरी तांच्या नावांतल्यान एकच अर्थ दिसून येता. संस्कृतांत 'सिध्द' म्हळयार खरे करून दाखोवपी, सामर्थ्यवान असो. देखून सिध्दभैरांव म्हणजे सिध्द करून दाखोवपी वा सामर्थ्यवान असो भैरांव असो अर्थ जाता. काळभैरांव ह्या नांवांतल्या 'काळ' ह्या उतराचो अर्थ दुश्टांचो नाश करपी, वा दुश्टांचो काळ जावपी असो जाता. जाल्यार शंकभैरांव ह्या नांवांतलें 'शंक' हें उतर मूळ 'शक्' ह्या संस्कृत उतरावेल्यान घडलां आसूंक जाय आनी ताचो अर्थ 'समर्थ' असो जाता.

चंद्रनाथ पर्वताशिवाय पेडणें तालुक्यांतल्या मोरजे गांवांत काळभैराव मेळटा. तशेंच ह्याच तालुक्यांतल्या धारगळ गांवांतय काळभैरांव आसा. पूण हो काळभैरांव मूळ तिसवाडी तालुक्यांतल्या दिवाडी जुंव्यावयलो. सोळाव्या शतमानांत जेन्ना पोर्तुगेजांनी थंयच्या देवळांचो विध्वंस केलो तेन्ना थंयच्यान तो कोलवाळे आनी कोलवाळच्यान धारगळ पावलो.[१२]

साश्टी तालुक्यांतल्या फातर्पे गांवांत श्री शांतादुर्गा कुंकळकान्नीच्या देवळाकडेन सिध्दभैरांव मेळटा. सांगे तालुक्यांतल्या कुमारी गांवांतय श्री मल्लिकार्जुनाच्या देवळाकुशीक सिध्दभैरांव आसा.

गोंयांत 'सिध्दाचे मठ' जायते कडेन मेळटात. शंकभैरावाची देवळां मात गोंयांत चड कडेन मेळनात.

'भूतनाथ' म्हणजे 'भुतांचो नाथ'. गोंयांत भूतनाथाक चंद्रेश्वराचो (महादेवाचो) सेनापती आनी भैरांवाचो मुखेली अशें मानतात. गोंयाभायर भूतनाथ हें उतर महादेवाकय उद्देशून वापरिल्लें मेळटा. मुळच्या गणरौदुऱ्याचें रूपांतर शिवगणाच्या मुखेल्यांत म्हणजे भूतनाथांत जाल्ल्याचें कांय जाणांचें मत आसा.

सांगें तालुक्यांतल्या कुर्पे गांवांत रावपी 'गोसांय' हो सिध्दाबरोबर भूतनाथाचो प्रतिनिधी. आश्विन शुध्द नवमी (नम) दिसा ताणें पर्वतार येवन आपलें त्रिशूळ पुरल्याशिवाय दसऱ्याची सुरवात करूंक मेळना. दसऱ्या दिसा चंद्रेश्वर आनी भूतनाथाच्या भाराबरोबर 'त्रिशुळ' हातांत घेवन रावणाचो मान ताचोच. चैत्रपुनवेच्या उत्सवादिसा गोंसायान हातांत त्रिशूळ घेवन दिमी मोडून भूतनाथाक सलाम करपाचो आसता. गोंसायान पर्वतार येवन त्रिशूळ पुरल्या शिवाय थंय कालो सुरू करूंक मेळना. चंद्रवाडीच्या बावीसय गांवांत भोंवडी करपाचो अधिकार गोंसायाक आसा.

कांय जाणांचे मतीन गोंसाय ही एक वेगळी जात आनी ती फकत सांगें गांवांतच आसा. हो समज चूकीचो आसा. कारण दिवचल–आमोणें गांवाकडेन संबंदींत सावंत घराण्यांत 'गोंसाय' आसात. काणकोण तालुक्यांतल्या श्रीस्थळ गांवच्या श्री मल्लिकार्जुन देवस्थानाकडेन संबंदीत गोंसाय आसात. तशेंच केपें–आमोणेच्या गौतम गोत्री भटांच्या घराण्यांक 'गोंसायाचें घराणें' म्हणपाची चाल आसा. ह्या सगळ्यांविशीं मेळपी माहिती आनी पूर्विल्ल्या कांय विधी–परंपरांचो अभ्यास करून अशें म्हणचें पडटा की, 'गोंसाय' हें कांय घराण्यांक, गांवच्या देव–देवस्पणा संबंदीत तांचेकडेन आशिल्ल्या थारावीक अधिकारांक लागून पडिल्लें बिरूद. 'गोंसाय' हें उतर मूळ 'गोस्वामी' ह्या उत्तरापासून घडलां अशें सर्वसाधारणपणान लोकांचें मत आसा. तरी पूण कांय जाणांचो असो समज आसा की गोंसाय म्हणजे 'गांवसायेक' आसपी, पयस रावलो तरी गांवचे राखणेक पावपी. गोंसाय संस्कृतीचें मूळ शिव देवस्थानाकडेन आसा.

चंद्रवाडीकडेन संबंदीत ह्या गोंसायान वर्साक दोनदां म्हणजे दसऱ्याकडेन आनी शिगम्याकडेन चंद्रवाडीच्या बावीसय गांवांनी भोंवपाची चाल आसा. दर गांवांत वचून तो थंयच्या मांडार आपलें त्रिशूळ पुरता आनी शंक फुंकून लोकांक कळीत करता. तशे दर घरांतल्यान नाल्ल–पड घेवन लोक येतात. मागीर गोंसाय तांकां 'राखण' (बिबूत) दिता.

मान्नी उमाशे दिसा पर्वतार 'भुतांची जात्रा' भरता अशें मानतात. वर्साक एकदांच त्या दिसा रातचें भूतनाथाचें देवूळ उत्कें दवरतात. ह्या दिसा सांजवेळची गोंसायान पर्वतार 'जोगण' करपाची

आसता. 'शेपेक एक' (प्रत्येक गोरवाक एक) हे प्रमाण कोंबे ने दिसा पर्वतार गोंसाय [illegible] आपल्या गोरवांचे राखणेक तांचे धनी हे कोंबे दितात. गावचो गोंसाय [illegible] वाघ्रयाचे घोलीकडेन वता आनी घोलींत जितो कोंबो सोडटा. त्या [illegible] जागत बसचें लागता. (घोलींत सोडिल्लो कोंबो परतून केन्नाच भायर येना, अशें मानतात.) केन्नातरी त्या घोलींत रावपी एका वाघ्रयान पर्वतार आसको धुमाकूळ घालो आनी [illegible] गोरवां-वासरां खावपाचो सपाटो लागिल्लो. त्या वेळार गांवचे लोक भूतनाथाक शरण गेले. भूतनाथान वर्साक एक कोंबो दिवपाचें उतर करून त्या वाघ्रयाक थंड केल्लो खंय.

गोंसाय हो मूळ थंयच्याय जातीचो आसूं, ताणें खेत्री धर्म स्विकारल्ल्या म्हणटात ताचेकडेन आसपी त्रिशूळावयल्यान आनी खेत्र करपाच्या ताच्या अधिकारावयल्यान सिध्द जाता.

चंद्रनाथ पर्वतावयल्या गोंसायाक सिध्दाचो वा भूतनाथाचो प्रतिनिधी म्हण फोंडे आनी पेडणें तालुक्यांत लेगीत भोवपाचो अधिकार आसा. शिवाय बाळ्ळी, कुंकळ्ळी, फातर्पें ह्या गांवांनीय तो वता. पेडणेंच्या हरमल गांवांत सिध्दाचो मठ आसा. तशेंच चंद्रवाडींतल्या शेळडे गांवांत सिध्दाचो मठ आशिल्ल्याचो खुणो मेळटात. सांगें तालुक्यांतल्या कुर्पे गांवांत जंय गोंसायाची वस्ती आसा थंय सिध्दाचो मठ आसा. हांगा सिध्दाच्या खेत्र्याचो फांतोर आसा. सिध्दाचो खेत्री गांवची राखण करता अशें मानतात.

चंद्रनाथ पर्वता शिवाय मोरजें गांवात काळभैरांव मेळटा आनी ताच्या समोर 'सिध्दाचो जागो' आसा. पेडणें तालुक्यांतल्या धारगळ गांवांतय काळभैरांव आसा. पूण हो काळभैरंव मूळ तिसवाडी तालुक्यांतल्या दिवाडेचो. इ. स. १५४० वर्सा जेन्ना पोर्तुगेजांनी दिवाडी जुव्यांतल्या हिंदुंच्या देवळांचो विध्वंस केलो तेन्ना थंयच्या कुळाव्यांनी ताका पेडण्या करून हाडलो. उपरांत थंयच्यान ताका धारगळ व्हेलो. आज धारगळ पाविल्लो हो दिवाडेचो काळभैरंव दिवाडे गांवांत आसतना एकटो नाशिल्लो. ताच्या वांगडा थंय आनीक एक भैरांव आशिल्लो अशी मान्यताय मेळटा.

चंद्रनाथ पर्वतावयली दसऱ्याची मिरवणूक रातची पाड्डें गांवांत पावली तरी ती दर्शन देवळांत वस्तेक रावता. पूण गोंसाय मात कितलीय रात जाली तरी थंयच्यान आमोणें गांवच्या कटोवाड्यार शेटकाराच्या मूळ घराकडेन वता. थंय जोत पेटोवन शंख फुंकता आनी खेत्र काडटा. ते रातीक तो शेटकारांगेर वस्तेक रावता. आश्विनपुनव जावन चंद्रेश्वर–भूतनाथाचीं तरंगां लोडयलीं म्हणटकच गोंसाय भोंवडेक भायर सरता.

पूर्वपरांगत साकून जोतकार घराण्यांतले कुडीचेर येवपी भूतनायाच्या अंवसराक मदल्या काळार चंद्रेश्वराचो अंवसर येना म्हण कोणें होरायलो ना. १९८७ वर्सा चंद्रेश्वराचो अंवसर उबो जालो पूण कांय कारणांक लागून जोतकार घराण्यांचे कुडीचेर भूतनाथाचो अंवसर आयलोना. १९८९ वर्सा साकून भूतनाथाचो अंवसर आमोल्यांतल्या एका मेस्ताचेर येता.

टीप :

प्रकरण ३ (अ)

१ – नाण्यार, पयश्यार.

२ – *The Culturral History Of Goa : Anant R. S. Dhume, Pg. 91, 92.*
३– घर बादले
४ – येवकार अध्यक्षालें उलोवपः शणै गोंयबाब, पृ. ११२.
५ – गौरव ग्रंथ : श्री संस्थान चंद्रेश्वर भूतनाथ, पारोडें, पृ. ५३.
६ – येवकार अध्यक्षालें उलोवप : शणै गोंयबाब, पृ. १३८.
७ – भारतिय संस्कृतिकोश, खंड–९, पृ. २३८.
८ – भारतिय संस्कृतिकोश, खंड–४, पृ. ४०७, ४०९.
९– भारतिय संस्कृतिकोश, खंड– ९, पृ. २३४.
१० – गौरव ग्रंथ : श्री संस्थान चंद्रेश्वर भूतनाथ, पारोडें, पृ. ५३.
११ – भारतिय संस्कृतिकोश, खंड–१, पृ. ५८०.
१२ –भारतिय संस्कृतिकोश, खंड–१, पृ. ५८०.
१३ – भारतिय संस्कृतीकोश, खंड–३, पृ, ५८१.
१४ – भारतीय संस्कृतिकोश, खंड–१, पृ. ५८०.
१५ – भारतीय संस्कृतिकोश, खंड–३, पृ. ५८०, ५८१.
१६ – भारतीय संस्कृतिकोश, खंड–८, पृ. ३६५.
१७ – येवकार अध्यक्षाले उलोवप : शणै गोंयबाब, पृ. ११७, ११८.
१८ – भारतीय संस्कृतिकोश, खंड–८, पृ. ३६५.
१९ – वलिपत्तनाचो सोद : शणै गोंयबाब, पृ. ९, १०.
२० – गौरव ग्रंथ : श्री संस्थान चंद्रेश्वर भूतनाथ, पारोडें, पृ. ३७.
२१ – ब्राह्मी, महेश्वरी, कौमारी, वैष्णवी, वाराही, इंद्रायणी आनी चामुंडा.
२२ – गौरव ग्रंथ : श्री संस्थान चंद्रेश्वर भूतनाथ, पारोडें, पृ. ८.
२३ – गौरव ग्रंथ : श्री संस्थान चंद्रेश्वर भूतनाथ, पारोडें, पृ. ३७.
२४ – स्मरणिका : दामोदर संस्थान जांबावली, १३ डिसेंबर १९७२.
२५ – देवभूमी गोमंतक : वि. ना. शे. धुमे, पृ. ९.
२६ – गौरव ग्रंथ : श्री संस्थान चंद्रेश्वर भूतनाथ, पृ. ६२, ६३.
२७ – भारतीय संस्कृतिकोश, खंड–३, पृ. ३००.
२८ – वलिपत्तनाचो सोद : शणै गोंयबाब, पृ. १४.
२९ – एक फांतोर जाची देव मानून पुजा करतात.
३० – भारतीय संस्कृतिकोश, खंड–६, पृ. ५९७.
३१ – भारतीय संस्कृतिकोश, खंड–६, पृ. ५९७.
३२ – देवभूमी गोमंतक : वि. ना. शे. धुमे, पृ. २३७, २३८, २३९, २४०.

आ. देंवचार

देंवचार हे शक्तीक देवासारकोच मान दितात. देंवचार झाडार रावपी. संकश्टाच्या वेळार

[illegible] तो मानल्याक तो पावतो, वाट चुकिल्ल्याक वाट [illegible] रस्त्यान [illegible] प्रवास करप्याक सांगात करतो, असो समज आसा.

देंवचाराची शिळा वा मूर्त नासता. कोणाकच दिसना [illegible] मनशाच्या भेसांत दिसता. केन्ना तो [illegible] कांबळीफटें आसता. माथ्याक मुंडासो, कानाक बिंदी [illegible] आसता. हातांतलो सोटो सण्ण सण्ण करून जमनीर मारीत [illegible] भोंवडी मारता अशें मानतात.

देंवचार आपल्या वाठारांतल्या सगळ्यांत [illegible] ताका मान करपाचो आसल्यार तो त्या झाडागुळांतच करतात. [illegible] आनी कोंब्याचो मान करतात. हो मान ताका गांवच्या मुखेल्याच्या ([illegible]) हातान दिवपाचो आसता.

'शेळें' नक्षत्राच्या मनशांकच देंवचार दिसता. जो कोण [illegible] पावता. रातच्या वेळार एकटो वचपाक भिरांत दिसत जाल्यार, '[illegible]' अशें उलो मारीत जाल्यार देंवचार थंय कोणायच्याय रूपान येवन ताका [illegible] असो समज आसा. तशेंच जो देंवचाराक मानना, ताजेविशीं [illegible] करता. ताका केन्ना तणाच्या गुडव्यांत लिपोवन दवरता, तर केन्ना [illegible] असो समज आसा. मड्डेर गेल्ल्या गोरवांक वा राखण्यांक तो [illegible] मागून, ताका फावो तो मान करतकच तो लिपयल्ल्यांक परतो दिता अशें मानतात.

विशेश गुणाप्रमाण देंवचाराचे चार प्रकार मानतात. ते अशें :


देंवचार – लोकवस्तेकडेन संबंद

म्हारू – शेतांकडेन संबंद

हापशी – मसण्णेकडेन संबंद

रौदिरो – दोंगराकडेन संबंद

देंवचार, म्हारू, हापशी आनी रौदिरो हे सगळे एकेच 'देंवचार' शक्तीचे प्रकार आशिल्ल्यान म्हारवाक, देवचार वा हापश्याक, म्हारू म्हणपाचो गोंदोळ जायते लोक करतात.



१. देंवचार :

आमोणें गांवांत सगळे चार देंवचार आसात. गांवच्यो चारीय शिगो राखपाचें [illegible] तांची. तांचे विशीं माहिती अशी :

चांगेश :

चांगेश म्हळ्यार चंद्रेश्वराच्या उतरान वलपी देंवचार अशें मानतात. हो देंवचार गांवचे उत्तर दिशेचे शिमेर आसा. ह्या देंवचाराक लागूनच ह्या जाग्यार व्हांवपी व्हाळाक 'चांगेशा व्हाळ' हें नांव पडलां.

वजर्‍यो :

वजर्‍यो हें उतर 'वजरो' ह्या शब्दावयल्यान आयलां. वजरो ह्या उतराचो अर्थ वयल्यान कोसळपी वा पडपी उदकाचो घोगो असो जाता. आमोणें गांवांत अशेतरेचो एक वजरो आसा. कुशावती न्हंय जेन्ना मुळघुडी कट्याक वेटाळो घालून खुद्द आमोण्यांत भितर सरता तेन्ना ती एका घुड्यावयल्यान सकयल देंवता आनी उदकाचो व्हडलो घोगो जावन सकयल कोसळटा.

वजर्‍यो देवचार गांवचे पश्चिम शिमेची राखण करता. पुराय न्हंयेचे देगेर ताचो राबितो आसा. वज्रेघुड्यार वजर्‍याचो एक फांतोर आसा. हो फांतोर एके बाजून झरिल्लो आसा. ह्या फांतरार वजर्‍यो सदां आपलो कोयतो पाजता देखून तो एके बाजून झरला असो समज आसा. फांतोडे पारार वजर्‍याच्या न्हावपाचो आवाज येता अशें लोक मानतात.

नास :

गांवचे शिमेची राखण करता नास. नास म्हळ्यार सगळ्या नश्टां–भश्टांचो नाश करपी. गावडी जमातीचे लोक नास हें उतर 'लास' अशें उच्चारतात.

कटो वाड्याच्या मड्डी पोटवाड्यार कोठंबी आमोणे रस्त्याकडेन नासाचो जागो आसा. ह्या नासाक आयत–बुधवाराक शेटकार दिवो पेटयता. हालींच्या वर्सांनी म्हळ्यार कटेकार आनी आमोणकारांच्यो होळयो दोन जाल्या उपरांत, ह्या नासाकडेन संवसारपाडव्या दिसा, कटेकारांचे पुरवणेचे कोंबे कापतात.

वागन्नांतलो देंवचार :

पूर्वेचे दिकेन गांवचे शिमेची राखण वागन्नांतलो देंवचार करता. 'वागन्न' म्हळ्यार 'वाग

रावपी रान'. चाकय देंवचारांगर्डी हो देवचार गोडी कडक. जर कोणाचेंय कितेंय चुकलें [illegible] वागाच्या रूपान दिश्टी पडटा आनी राखण्यांचेर आनी गोरवांचेर ओंपीय घालून तांका मारून उडयता अशें मानतात. गांवच्या गोरवां-वासरांचे भलायकेखातीर लोक ह्या देंवचाराक आंगोवण्यो करतात. ह्यो आंगोवण्यो दवरपाचो एक फातोर आसा. त्या फातराचेर देंवचार केन्नाय वागाच्या रूपान बशिल्लो दिश्टी पडटा अशें गांवचे लोक सांगतात.

वागन्नां दोन आसात. 'आयलें वागन्न' आनी 'वयलें वागन्न'. आयलें वागन्न आमोणेंच्या शिगेभितर येता जाल्यार वयलें वागन्न शेळडें गांवचे शिमेन आसतावना.

सुरवातेक वागन्नांतल्या देंवचाराक आमोणेंच्या गांयकाराच्या हातान मान मेळटालो, आता तो शेटकाराच्या हातान जाता.

२. म्हारू

'म्हारू' गांवचे शेतवडीची राखण करता.

शणै गोंयबाब 'गोंयकारांची गोंयाभायली वसणूक' ह्या आपल्या पुस्तकांत बरयतात 'बौध्दमांत जाका वसवती म्हार वा निंखटो 'मार' अशें म्हळां, तोच हो म्हार. ह्या म्हारान शाक्यमुनी गौतमाक बुध्द जावंचे आदी सुमार स वर्सां जायती पिडणूक भोगयल्या. गौतमाक बुध्द जावंक दिल्यार ताच्या उपदेसान संवसारांतले सगळे लोक निर्वाणाक पावतले आनी आपलें नरकाचें राज्य वसोवंक कोणच पातकी मनीस मेळना जावन तें सामकें पाड पडटले म्हणपाचो भंय माराक जावन तो गौतमाक ध्यान करीत बसला थंय आडमेळीं हाडूंक लागलो पूण शेवटाक गौतमाच्या तेजान ताका पळून वच्चें पडलें.'[१]

कांय जाणांच्या मतीन 'मार' (म्हारा) जातीचो आपले करणेन देवपणाक पावला आनी 'म्हारू' जाता. तर कांय जाण मानतात, म्हारू हें उतर 'मार' म्हळ्यार 'दोंगोर' ह्या उतराकडेन नातें दाखयता. दोंगरार रावन सत्ता गाजयता तो 'म्हारू'. कांय जाणांच्या विचारान 'म्हा अरिश्ट' येतकच जो आपल्या लेकरांक सांबाळटा तो म्हारू.

म्हारवा संबंदान गोंयकारांची गोंयाभायली वसणूक, ह्या पुस्तकांत जी वयर दिल्ली माहिती मेळटा ती आनी उपरांत दिल्यात त्या समजामदलें पयले दोन तर्क व्हडलेशे पटनात. कारण शणै गोंयबाबान दिल्ल्या माहितीप्रमाण म्हारू हो संवसारांतल्या वायटांक राखपी आनी बऱ्यांक पिडपी असो दिसता आनी हें पटना. कारण आमोण्यांतल्या वा गोंयच्या खंयच्याय म्हारवा संबंदान अभ्यास केल्यार, म्हारू हो बऱ्यांकच पावपी अशे दिसून येता. मात ताच्या बाबतींत कितेंय चुकल्यार तो पिडटा. पूण अशेतरेन देवय पिडटात.

उपरांत दिल्ल्या समजांतल्या पयल्या समजाप्रमाण म्हारू हो 'म्हार जातींत' जल्मांक आयिल्लो मनीस अशें जाता. पूण हेंवय सारकें न्हय. कारण म्हारू ही एक देंवचार वर्गांतली निराकार शक्त. कोणाय गनशाच्या मरणान ताची स्थापना जाल्ली पुरावोनिश्ट अशी माहिती मेळना. अतिप्राचीन काळार आपल्या जिवितात येवपी संकश्टांक आनी भयांक कोणाक तरी जापसालदार

घरचो आनी ताका प्रसन्न करून ह्या संकश्टातल्यान सुटकावाट मेळोवंची ह्या उद्देशान मनशान आपले कल्पनेंतल्यान कांय असामान्य आनी अदृश्ट अशा शक्तिची निर्मिती केली. म्हारू ही अशीच एक शक्त. जगांत सगळेकडेन अशेतरेच्यो शक्त्यो दिश्टी पडटात. (नांवां वेगळी आसात, पूण कार्य समान) जर वयल्या समजाप्रमाण म्हारू, हो म्हाराच्याच वंशांतलो आसत जाल्यार ताका म्हाराजातीच्या मनशाच्या हातानच मान करचो पडटलो आशिल्लो. पूण अशें घडिल्लें दिसना. त्या त्या गांवांच्या म्हारवाक त्या त्या गांवची वसणूक करपी घराण्यान, (मागीर तें खंयचेय जातीचें आसूं) मान करचो पडटा. शिवाय ज्या गांवांनी म्हाराजातीचें लोक रावनात, अशाय गांवांनी म्हारू [redacted]

दुसऱ्या समजाप्रमाण म्हार हें उतर दोंगराकडेन नातें दाखयता. म्हारू आनी देंवचार ह्यो एकाच देंवचार वर्गणांतल्यो शक्त्यो आशिल्ल्यान हिवूय जाप घुस्पल्या. म्हारवाचें नातें शेतवडीकडेन आसता, जाल्यार रौंदिरो दोंगराकडेन नातें सांगता. तिसरो समज मात 'म्हारू' उतराच्या अर्थाकडेन लागी येता.

'म्हारू' हें उतर मूळ 'मार' ह्या उतरापासून घडलां आसूंक जाय. 'मार' म्हळ्यार मारप, ना करप. जो नश्टया प्रवृत्तीक मारून गांवची राखण करता तो म्हारू.

प्रत्येक शेतवाडीचो एक 'मुदेली'[२] आसता. हेरांक 'भागेली' म्हण्टात. एके शेतवडीक एकच 'खळ' आसता. खळाकडेन 'म्हारवाचे झाड' आसता आनी त्या झाडार म्हारू रावता अशें मानतात. देखून जायते फावट ह्या म्हारवाक 'खळा म्हारू' अशेंय म्हण्टात. ह्या म्हारवाच्या धिरार शेतकार खाणयांनी भात खळार सोडून वतात. पूण तें चोरून व्हरपाची कोणाकच छाती जायना.

शेत रोवपासाकून भात घरा व्हरमेरेन म्हारवाक करपाचे मान अशें :

आमोणें गांवांत रोपणेवेळार, शेताचो मुदेली गांवकाराकडल्यान म्हारवाक सोरो, विडी, आनी हेर मान करून शेत रोवपाखातीर उतर मागता. उपरांत शेतांत 'घावो मारून' 'बियांतण' करता (इल्लेशें बीं पेरुन शास्त्र करता.) हे भेटवणेचेर शेत किल्लून व्हड जायसर आनी पोटूर फुटून भात पिकसर म्हारू राखण करता.

लुंवण लागीं पावली तशें खळ तासतात. चवथीच्या पंचमीदिसा, म्हळ्यार कृषी पंचमीदिसा खळ तासपाक 'वेळ' करपाची आसता. ह्यावूय दिसा गांवकाराच्या हातान म्हारवाक मान करूंन मुदेली खळार घावो मारता. एकदां खळ तासले म्हण्टकच म्हारवाचो राबितो खळार. खळाकुशीक म्हारवाक रावपाखातीर एक खोप बांदतात. जायत्यादां ही खोप झाडार बांदतात. एकदां खळार वेळ केली म्हण्टकच त्या वाठारांत कसलेंच भश्टपण जावूंक फावना. भश्टेबायलेन खळार वचपाचे नासता. तशेंच जोतीं बी घालून खळार वचप वर्ज आसता.

लुंवणेक सुरवात करचे पयलीं मुदेल्यान म्हारवाक मान करून 'मूठ' (मुठींत येतात तिंतलें कणसां आशिल्लें थाम) हाडून खळार दवरपाचो आसता. सगळें शेत लुंवन–मळून जातकच म्हारवाक मान करूनच भात घरा व्हरपाचें आसता. हे विधीक 'खळ काबार करप' अशें म्हण्टात. ह्या दिसा खळार मुदेल्या आनी भागेल्याबरोबर गांवचो गांवकार, थाणगी, म्हार, तारी, कुमार, मडवळ अशें जे गांवचे 'खळकुडवी' आसतात, तितलेय जमतात.

म्हार येनना [illegible] [illegible] ...
अशेतरेच्यो कोंड्याच्यो [illegible] ... खेळांतल्यासारको ल्हान आसता.

कुमार गाडगो, मडकी, बी येवन येता.

तारयो कागदाची वा लाकडाची नाव हाडटा.

शिवाय कांकणां, पिद्दुको, फणी, मुग्यांक [illegible] ... गांवकार वा गुदेली खंयच्यान तरी पैदागून हाडटा.

गांवकार सगळ्यांचे उपस्थितीत म्हारवाक पोरी, चिडी, [illegible] ... हातान कोंबो मारून अर्पण करता. [illegible] ... म्हारवाक सांगणें करून सगळ्यांक फोवांचो प्रसाद वांटता. [illegible] ... वांटयाचो 'खळकुडव' दितात.

खळावेलो हो विधी करून भात घरा कारतात. [illegible] ... भात दवरूंक जायना. कारण खळ कावार करताकच म्हारयाची [illegible] ... आनी धंयचो आपलो राबितोय तो सोंपयता.

३. हापशी

कांय जाणांच्या मतान 'हापशी' हें उतर 'हबशी' ह्या उतरावयल्यान [illegible] ... जाण हापशी म्हळ्यार 'हाप्प' करपी, सगळ्या वायटांक गिळून वडोवपी अशें [illegible].

हापशी मसण्णेची राखण करता. मसण्णेतले अतृप्त आत्मे जे लोकांक [illegible] [illegible], तांकां हापशी बांदून दवरता असो समज आसा.

आमोण्यांतलो हापशी गड्यांमसण्णेंत रावता. ह्या हापशाचो गड्यां मांडाच्या [illegible] [illegible] गड्यांमांडार तो 'गड्यां आंब्यार' रावता असो समज आसा.

४. रौदिरो

रौदिरो म्हळ्यार भयानक, जाका पळोवन सगळे वायट पळटा असो. संस्कृतांत ज्या अर्थान 'रूद्र' शब्द वापरतात, त्याच अर्थान गांवगिरे भाशेंत 'रौदिरो' हें उतर वापरतात.

आमोणें गांवाकडेन संबंदींत आशिल्लो रौदिरो चंद्रनाथ पर्वतार आसा. हो रौदिरो चंद्रवाडीच्या धुवांक लग्न जावन गेल्या तांच्या घरामेरेन पावता अशें मानतात.

टीप :

प्रकरण : ३ (आ)

१ – गांवकारांची गोयाभायली वसणूक : शणै. वा. र. वर्दे. वालावलीकार, पृ. १७, १८.
२ – गुखेली.

इ. भुतावळ

मनीस येवणेंत इत्सा अतृप्त उरून जे मरतात, तांकां मुक्ती मेळना ते भूतयेवणेंत वतात असो समज आसा. जे जे तरेन मरण येता ते ते तरेन ताकां नावां पडटात.

जायते फावट ही भुतावळ आपल्या मायेच्या मनशांच्या बऱ्याक येता, तर केन्ना तिची वेळार याद करना जाल्यार ती पिडा-पिडय करता. तिच्या वाठारांत रावपी वा भोंवपी मनशांकय ती पिडटा. हे भुतावळीचें आधिकार क्षेत्र थारायिल्लें आसता. एकाद्र्या घरांतले भूत खूबदां आपल्याच घराच्या वाठारांत शेक गाजयता, जाल्यार कांय वेळार मनीस येवणेंत आसतना ज्या जाग्यार ताचो संबंद आयिल्लो थंयूय ताचो अधिकार चलता. ज्या वाठाराचेर ज्या भुताचो अधिकार चलता, ताका त्या वाठाराचो 'वाठारो' म्हण्टात.

भुतावळीकडेन वार्तालाप करपाचें वा तिका आळाबंदा हाडपाचें काम घाडी–भगत वा बंठ ह्या सारके तांत्रिकच करूंक शकतात अशें मानतात.

भुतावळीच्या वाठारांत पावतकच जर कोणाकय त्या भुताची याद जायत वा भुताच्या भयान ताणें 'आंग काडत', तशेंच जमनीर पडत तर त्या मनशाक भूत बाधा करता. कांयवेळार तें भूत त्या मनशाच्या आंगांत प्रवेशय करता. अशावेळार तो मनीस खूब दुयेंत पडटा, तोंडान कित्याय कितें बडबडटा. वेळार उपाय जायना जाल्यार तो मनीस मरता लेगीत असो समज आसा.

अशेतरेन बाधा जाल्ल्या मनशाची म्हारा हातान 'दिश्ट' काडटात. आमोणें गांवांत गांवकाराच्या हातानय दिश्ट काडपाची चाल आसा. खट जर सागकेंच खर आसत तर घाडयाक खुदोवन ताका धांवडायता. केन्ना त्या भूताक बाटलेंत भरून दर्यांत व्हरून उडयतात. भारा–अंवसरा म्हन्यांतय भुतान झपाटिल्ल्या मनशाक व्हरतात. भुतान वचपाक न्हयकार दिल्यार भार ताका (भूत लागिल्ल्या मनशांक) बेतकाठयेन बडयता. माराच्या भयान उपरांत भूत आपणें झपाटिल्ल्या मनशाक सोडून पळून वता. अशा वेळार भूतान झपाटिल्ल्या मनशान जर जमनीक घांस काडत तर ताच्या आंगावयलें भूत गेलें अशें सिध्द जाता असो समज आसा.

मरणाच्या प्रकारावयल्यान भुतावळीक पडिल्लीं कांय नांवां अशीं :

समंद :

बारा वर्सांवयर पिरायेचो पूण लग्न जायनाशिल्लो, जो दादलो लासून, झाडावयल्यान पडून,

जिवार घाबून वा हेर तरेच्या अपघातान मरता तो मसंद जाता.

खेत्री :

लग्न जाल्लो दादलो अपघाती मरतकच खेत्री जाता.

निमो वा दिणो :

बारा वर्सां पुराय जावंचे पयलीं चलो भुरगो मरत जाल्यार तो निमो वा दिणो जाता.

मुंजो :

मुंज बांदिल्लो पूण लग्न जायनाशिल्लो वा सोडमुंज केलोनाशिल्लो दादलो भुरगो मरतकच मुंजो जाता.

सटी :

भुरगेंपणांत लग्न जाल्ली पूण भश्टी जावंचे पयलीं जी चली मरता ती सटी जाता.

वारगत :

भश्टी बायल मरत जाल्यार ती वारगत जाता अशें मानतात. गोंयांत कांयकडेन तिका 'अवगत' वा 'देवगत' म्हण्टात, तर कांय कडेन तिका 'म्हारगत' अशेंय म्हण्टात. ती चड करून भश्टे बायलेकच पिडटा. रातची आनी दनपारावयली ती म्हातारेच्या रूपान भोंवता अशें मानतात. देखून भश्टे बायलेन ह्या दोनय पारांनी एकटी भोवूंक जायना असो समज आसा.

आलवांतीण :

आलवांतीणीक कांयकडेन 'आळवांतीण' अशेंय म्हण्टात. गुरवार आसतना वा बाळंत जातना वा भश्टांत (बाळंत जावन म्हयनो जावंचे आदी) जी बायल मनीस मरता ती आलवांतीण जाता असो समज आसा. सगळ्या भुतांमदीं आळवांतीण चड कडक. ती चड करून गुरवार बायलेक वा निक्तिच बाळंत जाल्ले भश्टांतले बायलेक पिडटा. एकदा आलवांतीण लागली म्हण्टकच ती ते

बायलेक व्हेल्याबगर वचना. जेन्ना दिसता, तेन्ना ती ल्हान भुरग्याक हाड्डीर घेवन दिसता. केन्ना ती गुरवार बायलेच्या रूपांतय दिसता. तांबडी फुलां आनी तांबडे कापड, ह्यो आलवांतीणीक वळखुवपाच्यो दोन मुखेल कुरवो.

निपुत्रीक :

वांजूड दादलो वा वांजूड बायल मरतकच निपुत्रीक जातात.

बाळसटी :

तीन वर्सांपुराय जावंचे पयलीं मरपी भुरगें बाळसटी जाता.

ब्रह्मराकेस :

एकाद्र्या विव्दान ब्राह्मणाच्या हातान मोठें पातक घडत जाल्यार मरतकच ताचो ब्रह्मराकेस जाता. एकाद्र्या घरांत ब्रह्मराकेस भितर सरत तर त्या घरार रात्री–अपरात्री फांतर पडिल्याचे आवाज येतात वा घरांतलीं आयदनां आपुणशीच गडगडटात वा अशेतरेचे कसलेय विचित्र आवाज येतात. ब्रह्मराकेसाचें वास्तव ज्या जाग्यार आसता, थंय हळशीक वास येता अशें मानतात.



हे भुतावळीशिवाय आनीकय नश्टी कलमां वा खर्नां आसात. एकाद्रो मनीस मरतकच ताणें भुतावळ जावन लोकांक पिडचे न्हय म्हण ताच्या घरांतले, मरणाच्या वेळार, जे तरेन मरण आयलां ते प्रमाण गरजेच्यो अश्यो विधी करतात. जायते फावट ह्यो विधी सारक्यो जायनाशिल्यान भुतावळ आपल्या घरच्यांकय पिडटा. तशेंच जायते लोक भुतावळ जाल्या आपल्या मनशांक 'जोडीक' हाडटात. जेन्ना अशेतरेन जोडीक हाडलेल्या भुतावळीची सेवा सारकी जायना तेन्ना तीच भुतावळ पिडूंक लागता असो समज आसा. हाचे वयल्यान कोंकणींत एक म्हण घडल्या, 'जोडीक हाडलेलो गोमटेर बसलो !'

वयर सांगल्या ते तरेची सगळी भुतावळ आमोण्यांत आसा असो समज़ आसा. आमोण्यांत मेळपी दोन वारगती म्हळ्यार, म्हालवारगत आनी शेटकारांली–वारगत ह्या दोगींकय तर देवपण प्राप्त जाल्लें आज दिश्टी पडटा. गांवच्या ग्रामदैवतांबरोबर तांचीय पुजा जाता.

परबो, उत्सव आनी व्रतां

आगोणें गांवच्या लोकांचे जिणेंत देव-देवस्पणाक खूब म्हत्व. वर्सुभर ते कसलीं ना कसलीं तरी परब, उत्सव वा व्रत मनयतना दिश्टी पडटात.

गांवचे लोक जितले धार्मीक वृत्तीचे, तितलेच सामाजीक एकवटाचे. हिंदू-ख्रिस्तांव असो दोन वेगळ्या धर्माचे लोक जरी गांवांत आसले तरी ह्या परबां-उत्सवांनिमतान सामाजीकपणांचो एकवट आनी भावकी दिसून येता.

आगोणें गांवच्यो परबो, उत्सव आनी व्रतां एकठांय करून जर तांचें वर्गीकरण केलें जाल्यार तें फुडें दिलां ते प्रमाण जाता. मात हे वर्गीकरण करचे पयलीं प्रत्येकाचे वर्णन जाणून घेवप गरजेचें जावन आसा.

परब : एकाद्र्या धर्माची परब त्या धर्मांतल्या सगळ्यांच लोकांक लागू जाता. तिचो देवळांकडेन संबंद नासता.

उत्सव : अमुकच एका देवळा वा अमुकच एका गांवा पुरतो संबंदीत आसता. एकादो उत्सव त्या धर्मांतले सगळेच लोक मनयतात अशे ना. जायते फावट एकाद्रे परबे दिसा, गांवच्या देवळांत ते परबेक लागू जावपी असो एकाद्रो उत्सव जाता.

व्रत : अमुकच एका गांवान, घरान वा व्यक्तीन आपल्या फायद्याखातीर वा अमुकच एका देवाक प्रसन्न करून घेवपाखातीर केल्ली आराधना. व्रत चड करून आपल्या इश्ट देवाचेंच करतात. प्रत्येक देवाचें व्रत करपाची पध्दत वेगळी आसता. दोन वेळचें वा एक वेळचें जेवण जेवन, फलाहार करून वा सामको निराहार रावनय व्रत करतात. व्रत जितलें कडक, तितलें ताचें फळ चड. व्रत करपी त्या त्या देवाक इश्ट आशिल्ल्यो वस्ती ओंपून ताका प्रसन्न करून घेतात. ताच्या आवडीच्या रंगाचें न्हेसण न्हेसूनय व्रत करतात.

अ. हिंदू समाज

परबो

संवसार पाडवो : (चैत्र शुध्द प्रतिपदा)

ह्या दिसा फांतोडेर उठून, न्हावन-धुवन नवीं वस्त्रां घालून देवाची पुजा करपाची आसता

ह्या दिसाचें खाशेलेपण म्हळ्यार 'कडूलीबू'. कडूलिबाचो रोस पिल्याबगर ह्या दिसा कांयच खावपाचें नासता.

ह्या दिसा घरांतल्या जाण्टयान, 'पुरसाक' न्हाणोवन ताची पुजा करपाची आसता. पुरसाक 'कडूलिंबाच्या पानांचो' आनी गोड–गोडश्याचो नेवेदय दाखयतात. ह्या दिसा घराच्या मुखेल दरवट्यार एक नाल्ल बांदपाची चाल आसा. तो नाल्ल घरांत भितर सरपी सगळ्या वायटांक आडावन घराची राखण करता असो समज आसा. हो नाल्ल वयलेवयर काडिल्लो आसूंक जाय आनी सकयल बी दवरूंक जायना.

संवसार पाडव्या दिसा जी गजाल करता ती वर्सूयभर मेळटा असो समज आसा. देखून त्या दिसा जेवणाचे खूब प्रकार रांदतात. संवसार पाडव्यादिसा कामाक गेल्यार वर्सूयभर नशीबांतलें काम चुकना अशें लोक मानतात.

संवसार पाडव्या दिसा दारांत 'घुडी' लावपाची चाल आसा. आमोणें गांवांत फकत भटां–बामणांगेरूच अशी घुडी लायतात.

एके नवे कोंड्याचे बडयेच्या तोंकार नवें वस्त्र घालतात आनी ताचेर एक चेंबू वा लोटो उमयो घालतात. अशेतरेन तयार केल्ली घुडी फुडल्या दारांत घराच्या पाख्या वयर लायतात. घुडयेक फुलांच्यो माळो बी घालून सजयतात.

आमोणें गांवचो गांवकार ह्या दिसा जल्म्याच्या मठांत पुजा करून 'बावीस वाडयांचो' नेवेदय दाखयता.

संवसार पाडव्यादिसा जल्म्याच्या मठाकडेन वर्साचें 'पंचांग' वाचपाची चाल आशिल्ली. दनपारचे जेवन–खावन जाल्या उपरांत गांवचे लोक जल्म्याच्या मांडार जमताले. थंय गांवचो पुरयत वर्साचें पंचांग वाचून दाखयतालो. चालू वर्सांत पावस खयच्या नक्षत्रांचेर बसला ? कितलो कुडोव पावस पडटलो ? गिराण केन्ना आसा ? लंग्न–मुंजी खातीर मूर्त केन्ना आसात, अश्यो जायत्यो म्हत्वाच्यो गजाली भट गांवच्यांक सांगतालो. ह्या वीस वर्सांत पंचांग वाचपाची चाल बंद पडल्या.

करमलाखोल्यांची पुनव : (आंषाढ पौर्णिमा)

हे परबे दिसा रानांत जावपी 'करमल' नांवाच्या झाडाचीं पांना हाडून त्या पानांचेर देवाक नेवेदय दाखोवपाचो आसता म्हण हे परबेक करमलाखोल्यांची पुनव हें नांव पडलां.

ह्या दिसा घरांतल्या सगळ्या लोकांनी करमलाच्या पानांचेरूच जेवपाचें आसता. ही परब सोडून हेर सगळ्या परबांक देवाक केळी पानांचेरच नेवेदय.

मुसां उमास : (आषाढ अमावास्या)

ह्या दिसा घरांत गोड–गोडशें रांदून देवाक नेवेदय दाखयतात, कावळ्याक 'कांकोळ'

घालतात. ह्या दिसांचें खाशेलेपण म्हणजे, हे परबेक 'गुमटा' [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] दवरपाचें आसता. जेवन-खावन जाल्या उपरांत [illegible] [illegible] '[illegible]' [illegible] 'आयच्यान तुगीं हांगाचे वचात' अशें म्हणत गुमटाक [illegible] [illegible].

ही उगास जाल्ली तशी गूस कशी आनात अशें मानतात.

नागपंचम : (श्रावण शुध्द पंचमी)

गांवांत फकत भट, बामण आनी गावडी जमातीच्याच लोकांगेर नागपंचम करतात. हेरांगेर नागपंचम करनात पूण त्या दिसाचें म्हत्व मानतात.

गांवांत, भटांगेर वण्टीर नागाचें चित्र काडून पुजतात. जाल्यार गावडी जमातीचे लोक, मातयेची नागआकृती करून ती पुजेक लायतात. नागाक दूद आनी ल्हायो ओंपतात. पंचखाद्य आनी आन्नाचोय नेवेदय दाखयतात. नागपंचमीक खास 'पातोळयो' नांवाचो गोड पदार्थ रांदतात.

गांवांत गावडीजमातीचे लोक ही परब मोठे उमेदीन मनयतात. तांगेर ही परब मनयतना तांकां गुद्दाम जेवणाक आपोवन व्हरपाची चाल आसा.

बायलो नागागुखार फुगडी घालतात, नाच करून आनी गीतां गावन ताका रिजयतात.

नागाची आकृती दुसरे दिसा न्हंयेंत व्हरून सोडपाची आसता.

हांगाच्या गावडी जमातीच्या लोकांच्या मताप्रमाण नागपंचम करपाचो हेतू असो : शेषनाग जो विष्णुचें आसन आसा ताणें आपल्या माथ्यार पृथ्वीचो भार सांबाळून धरला म्हूण तांची ह्या दिसा पुजा करतात.

हे गजालीची याद म्हण, ह्या लोकांगेर पुजेखातीर नागाची जी आकृती तयार करतात तिच्या मस्तकार पृथ्वीचो भार दाखयतात. म्हणजे मातयेचो एक गुळो करून दवरतात.

नागपंचमी दिसा जमीन दुखवतली अश्यो कांयच गजाली करूंक जायनात. देखीक : झाड हुमटावप, शेतांत खणप, पांय जमनीर मोठ्यान आपटुवप बी. अशें केल्यार जमनींतल्यान नाग भायर सरून जाणें दुखयला त्या मनशांक चाबतात अशें मानतात.

सुतापुनव : (श्रावण पौर्णिमा)

गांवांत फकत भटां–बामणांगेरूच सुतापुनवेची परब करतात. घरांतल्या पुरसांची आनी देवाची पुजा करून देवाक सूत ओंपतात. उपरांत घरांतले सगळे दादलेमनीस आपल्या गळ्यांत सूत (जानवें) घालतात. ह्या दिसा घरांत गोड–गोडशें रांदतात.

ह्या पंचवीस – तीस वर्सांत उत्तर भारतांतल्यान राखीची प्रथा गोंयांत पावल्या. आनोगें गांवचेरूय ताचो प्रभाव जाला. चड करून नवे पिळगेंतल्यो भयणी ह्या दिसा आपल्या भावाक राखी

बांदतात.

नव्यांपंचम : (श्रावण वद्य पंचमी)

फाटल्या तीस चाळीस वर्सां आदी आमोण्यांत नव्यापंचमीक आगळेंच म्हत्व आशिल्लें. पर्वतारसाकून खास वाजंत्री गांवांत येताले. उपरात वाजपा-गाजपा सयत गांवकार 'गांवकारां नमशींत' वतालो. थंय देवाक सांगणें करून आनी खावंच्या पानांचो विडो दवरून तो 'नवें' (नेंवे, भाताचें कणस) कापतालो.

उपरांत चंद्रेश्वर-भूतनाथ, भैरांव, जल्मी, खुंटी, मुदेश्वर अशा सगळ्या ग्रामदैवतांक एक-एक नवें दवरून तो गांवच्या 'पिंपळा पेडार' येवन बसतालो.

आज नवीं कापपाखातीर वाजप घेवन वचपाची चाल बंद पडल्या. गांवकार एकटोच वचून नवीं कापून घेवन येता.

गांवांतल्या दर एका घरांतलो जाण्टो मागीर न्हावन-धुवन पेडाकडेन वता आनी नाल्ल-पड दिवन नवीं घेवन येता. हीं नवीं घरांत व्हरून एका पाटार दवरतात. ह्या पाटाम्हन्यांत दिवली पेटोवन दवरपाची आसता. पाटाभोंवतणीं रांगोळीय घालतात.

कोंड्याच्यो बडयो, आंब्याचीं पानां, आनी कुमयाचे वाये वापरून उपरांत ह्या नव्यांचें एक 'तोर्ण' तयार करतात. ह्या नव्यांची पुजा करून आनी नेवेद्य-वाडी दाखोवन मागीर घरांतल्यानी जेवपाचें आसता. घरांतल्या जाण्ट्यान भरिल्ल्या पोटार, घराच्या मुखेल दरवट्यार तें 'तोर्ण' लावपाचे आसतात. तें तोर्ण एका वर्सान बदलतात. ह्या शिवाय घरांतल्या आवतां-आयदनांक एक-एक नवें बांदतात. ह्या नव्याक आंब्याचें पान धरतात आनी तें कुमयाच्याच वायान बांदतात.

जांगेर सुतापुनव नासता ते ह्या दिसा गळ्यांत सूत घालतात. कांय वर्सां आदीं गुरवान वाजप-गाजप घेवन येवन गावांत सुतां वाटपाचीं चाल आशिल्ली. सुतां घेवन येवपी गुरवाक लोक नाल्ल-पड दिताले.

आमोणें गांवांत ह्या दिसा तिनीकात्रीचो गांवचो गांवकार, भटां-पाणट्यार वचून उदकांत एक 'तार' करून सोडटा. तार म्हण तो माडाची एक पोंय घेता. हे पोंयेंत पिठाचे दोन गुळे करून दवरता. तांतलो एक गुळो तांबड्या रंगान वा पिंजरीन रंगयता. दुसरो तसोच दवरता. तसोच दवरिल्लो पिठाचो तो धवो गुळो म्हणजे 'दादलो' आनी पिंजरीन रंगयल्लो तांबडो गुळो म्हणजें 'बायल' अशें मानतात. हीं पोंय हातांत घेवन गांवकार सांगणें करता आनी मागीर पोंय उदकांत सोडटा.

खूब वर्सांआदीं खंय नव्यापंचमीदिसा, थाणग्याच्या घराण्याचें नवेंच लग्न जाल्लें एक 'व्हॉवर' तारयासयत न्हयेंत बुडून मेल्लें. ताणीं गांवांक कांय वायट करचें न्हय म्हण गांवकार अशेतरेन वर्साक एकदां तांची याद करता.

चवथ : (भाद्रपद शुध्द चतुर्थी)

चवथ ही आमोणे गांवांतच न्हय तर आख्ख्या गोंयांत मानतात व्हड भोंवीदी आनी व्हडली परब.

श्रावण लागताच चवथीची तयारी सुरू जाता. घरां-दारां सारोवन सुणोवन रंग करतात चवथीचे तयारेक लागतात. आठ-धा दीस आसा म्हळ्यार भुरग्यांक 'चवथ' हाडपाची तांतली सुरू जाता. चवथीच्या दोन-तीन दीस आदीं भुरगे मळ्ळेर भोंवन 'माटोळी' सोदून हाडटात. पूण रानटी माटोळी घरांत हाडूंक जायना असो समज आसा. देखून ती भायर तुळशीमाडा वा खांबाक बांदून दवरतात.

चवथीचो आदलो दीस म्हळ्यार 'तय'. हे तयेक सवाशणी बायलो व्रत करतात. ताणें व्रत सागकें कडक. फकत फळाहाराचेरूच रावपाचें आसता. गांवांत भटाच्यो सवाशणी हरतालकेच्या पुजेक लायतात. ह्या दिसा गौरीन शंकराच्या प्राप्तीखातीर व्रत केल्याचें मानतात.

गांवांत गावडी जगातीगेर गात तयेचें व्रत करपाची चाल ना.

आमोणें गांवांत, गणपतीची मूर्त तये दिसा सांजवेळार हाडपाची चाल आसा. गणपतीक तेंपार गणपतीची मूर्त नव्या खोटल्यांत दवरून माथ्यार धरून घेवन येतात. मूर्त हाडटना घुमट हाडपाची आसता. घरांतली सवायशीण राट-दिवो दाखोवन मूर्त घरांत घेता. त्या वेळार तिका मुर्तीचें तोंड पयलीं दाखोवपाचे आसता. चंद्रवाडींत शिरवय आनी अवेडे गांवांत चित्रकारांकडेन गणपतीच्यो मुर्त्यो करतात.

गणपतीक बसोवपाखातीर तरेकवार रंगाच्यो फोली लावन 'मखर' सजयतात. मखराच्या माथ्यार 'माटोळी' बांदतात. माटोळेक घरांतल्या जाण्टेल्यान सगळ्यांत पयलीं नाल्ल बांदूंक जाय.

माटोळेक बांदपाची खोशेलीं रानफळां म्हळ्यार : चेन्याफळां, कांगलां, माट्टुकुलां, (फळां) कुड्याफुलां(फळां), नाल्लबोंडे बी.

हेर फळां : केळीं, चिकू, पणस, पेरां, डाळींबां, चिबडां, मोगीं, लिंबू, तोरंजां, सफरचंदां, मोसुंब्यो, शिताफळां बी.

शाक भाजी : तवशीं, दुदी, भेंडे, घोसाळीं, काराथीं, वीरवीर, निरफणस बी.

माटोळेक सुपारेचें 'शिष्टें' य बांदतात. आंब्यापानांचें तोर्ण बांदून माटोळी सजयतात.

गणपतीक बसोवंचे पयलीं माटोळी– मखर बी सगळें सजोवन तयार दवरचें आसता. मुर्तेची एकदा प्रतिष्ठापना केली म्हण्टकच उत्तरपुजा जायसर माटोळी हालोवंक मेळना. गणपतीक तांदळाचे बसकेर बसयतात.

चवथी दिसा भटाक हाडून गणपतीचे मुर्तेची प्रतिष्ठापना करतात. गणपतीचे पुजेक फुलां, पत्री, दुर्वो, वस्त्रां, अष्टगंद, जानवें, कापूर, उजवाती आनी हेर जायत्यो वस्ती लागतात.

गणपतीचे पुजेपयलीं ताच्या आवय –बापायची म्हळ्यार, 'गौरी – शंकराची' पुजा करपाची

आसता. शंकराचें वा महादेवाचें प्रतीक म्हण 'नाल्ल' दवरतात. हो नाल्ल सोलनाशिल्लो म्हणजें सोण्णांचो आसचो पडटा. (हरशीं देव–धर्माक नाल्ल सोलिल्ले वापरतात आनी त्या नाल्लाक 'शेंडी' दवरतात.) गौरीपुजेखातीर कागदाचेर चित्रायल्ली 'गौरणा' घेतात.

महादेवाचे पुजेक बेल, कांसाळेचें पान, नेराचें कणस, हळदीचें थांब, आनी एकवीस मणयांचें वस्त्र (कापसाचें) लागला. गौरीपुजेक पांचवीं कांकणां, काळयो पिड्डूको, आनी एकवीस वायणां लागतात. अणशीच्या दोऱ्याचेर पांच पांच पिड्डूको गुंतून ह्या वायणांक बांदतात.

घरांतल्या प्रत्येक सवायशिणीन वायणां पुजेक लावपाचीं आसतात. हीं वायणां आवय घरच्यान धुवेक धाडपाची चाल आसा.

चवथी दिसा पुजेक लायिल्लीं वायणां पंचमीदिसा वाटूंक जातात. वयान आनी मानान आपल्याच्याकय व्हड आशिल्ल्यांक हीं वायणां वांट्टात. आमोणें गांवांत पयलें वायण गांवकान्नीक दिवपाची चाल आसा.

चवथी दिसा गौरीच्या दुवाळ्यांचें जेवण म्हण, 'वरण' आनी 'पांच पाल्याची' भाजी रांदतात. हें जेवण अळणी आसूंक जाय. गणपतीक मोदक आवडटात म्हण 'पुरणाचे' वा 'चुन्नाचे' एकवीस मोदक करून ताचो नेवेदय दाखयतात. गणपतीचें वाहन म्हण हुंदराक हे परबेक खास मान आसा. (श्रावण प्रतिपदेसाकून चवथीची परब सोप मेरेन हुंदीर मारूंक जायनात असो समज आसा.) हुंदराक चवथीच्या दोनय दीस 'पान' वाडटात. हीं पानां तशींच कडेक काडून दवरतात आनी गणपती पावयतकच तीं वाजत–गाजत व्हरून आळवा झोपींत दवरतात.

चवथी दिसा चंद्राचें तोंड पळोवंक जायना, पळयल्यार वर्सूयभर आंगार कसलें ना कसलें तरी किजील येता असो समज आसा. चुकून नदर पडलीच जाल्यार ताणें कितेंय तरी विघ्नाटेपणा करून लोकांच्यो त्या दिसा गाळी खावंक जाय. अशें केल्यार बाद मोडटा आनी ताचेर मागीर मुखार कसलोच आळ येना अशें मानतात.

ह्या संबंदान एक काणी सांगतात, ती अशी :

एकदा गणपतीन चवथी दिसा आपल्या आवडीचें खाण, म्हणजे मोदक खूब खाले, देखून ताचे पोट तट्ट फुगलें. जेवन जालें तसो गणपती आपल्या वाहनाचेर म्हणजे हुंदराचेर बसून भोंवडेक भायर सल्लो. पूण आता हूंदराच्यान ताचो पेज सांबाळूंक जायनां जालो, तो लवंडत लवंडत वचूंक लागलो आनी अकस्मात हूंदराचो तोल गेलो. ते बरोबर ताचेर बशिल्लो गणपती सकयल पडलो. ताचे तट्ट जाल्लें पोट जमनीर आपटल्ल्यान फुटलें, तांतूतल्यान मोदक सकयल पडले.

जमनीर पडिल्लो गणपती हळू हळू उठलो ताणें पळयलें आपल्या पोटांतले सगळे मोदक सकयल पड्ल्यात म्हण. ताणें बेगीबेगीन एक एक मोदक उखलून आसा तसो पोटांत भरूंक सुरवात केली. वयर रावन हें सगळें पळयतल्या चंद्राक खो खो करून हासूंक आयलें. तशी गणपतीन मान वयर केली आनी आपल्याक चंद्र हांसता तें पळोवन रागान तांबडो जालो. ताणें चंद्राक श्राप दिलो, "आयच्या दिसा तुजें तोंड कोणच पळोवपार ना आनी जर पळयत तर वर्सूयभर ताचेर कसलो ना कसलो आळ येत रावतलो !" तें आयकून चंद्र भियेलो. ताणें गणपतीकडेन भोगशिणी मागली. उपरांत गणपतीन ताका उपःशाप दिलो, जर कोणय ह्या दिसा चंद्राचे तोंड पळयत तर ताणें कितेंय

तरी वायट काम करून, किर्तीन आंगार घेतल्यार ह्या चवथीचो बाद पडिल्लो म्हण.

दुसऱ्या दिसा म्हळ्यार पंचमी दिसाय पुजा, आरत्यो, भजन, फुगडयो हें करून देवाची आराधना करतात. कांय बर्सां फाटीं ह्या दिसा गांवांत हळदाय किर्तीन ... पंचमीक नवेंच्या आवडिच्यो म्हण 'गोंयो पातोळयो' करतात. नव्या भाताचे तांदूळ घालून 'पायस' करतात. हाका 'उष्टावनाचो पायस' अशें म्हणटात. हो परबी लोकांक वाडपाची नामना.

चवथीच्या हे पंचमीक 'कृषीपंचम' अशेंय म्हणटात. तांचे नवार पंचम करतात. ते ह्या दिसा घरांत नवीं हाडटात. आगोणें गांवचे शेतकार ह्या दिसा खळ नांगराक ... करून घेतात.

पंचमी दिसा जेवन-खावन जाल्या उपरांत गणपती पळोवंक वचपाची चाल आसा. किदेन पाच गणपती तरी पळोवंकच जाय असो समज आसा. रातचे गांवचे सगळे एक जावन दरेकाघरा आरत्यो करतात, उत्तरपुजेक भटाची गरज आसता.

आरत्यो सोंपून नेवेदय दाखयतकच गणपतीच्या हातांत 'ल्हायांचो लाडू' दिवन उत्तर सांगणी करतात. पुजा करपी गणपतीच्या माथ्यार ल्हायो घालता आनी 'मोगऱ्यांनी' म्हण गणपतीची बस्का हालयता. मांटोळीय हालयता. उपरांत जगिल्ल्यांक पंचखाद्याचो प्रसाद वांटटात.

गणपतीक लोक जायत्यो आंगवणी करतात. त्यो उत्तरपुजेची सांगणी जावचे आदीं पावोवपाच्यो आसतात. भुरगें नाशिल्ल्याक भुरगें जाल्यार त्या भुरग्याक गणपतीक बांदून एक खाशेली आंगवण करतात. तिवूय ह्याच वेळार पावयतात.

हरशीं चवथीची परब देड दिसाची, पूण गांवांत सगळ्यांगेर आरत्यो जातना म्हणसर दीस उदेता, देखून गणपती सकाळ फुडें पावोवप जाता. सकाळफुडें सगळे गणपती घेवन गांवच्या पिंपळापेडाकडेन जमतात. थंय तांचेर ल्हायो घालतकच पाणट्यार वचपाक वतात.

घरांतल्यान भायर काडटकच गणपतीचेर तुळशीकडेनय ल्हायो घालपाच्यो आसतात. तशेंच वतना गणपतीक तिनदां घराचें तोंड दाखोवपाचें आसता.

पाणट्यार लोक एकमेकांच्या गणपतींच्या आंगावयलीं फुलां प्रसाद म्हण काडटात. जागें पुजा केल्ली आसता तो नाल्ल फोडून गणपतीच्या माथ्यार नाल्लाचें उदक घालता. उपरांत गणपतीक उदकांत पावयतात. उदकांत दवरतना, गणपतीचें तोंड गांवावाटेन करूंक जाय. गणपती पावयतल्यान ताच्या गळ्यांतलें जानवें काडून आपल्या गळ्यांत घालपाचें आसता. तशेंच गणपतीच्या हातांत दिल्लो लाडू ताणें आपल्याक दवरपाचो आसता. पाणट्यार गेल्ल्यांक काकलेच्चे शिरण्यो प्रसाद म्हण वांट्टात.

चवथीची परब जरी देड दिसाची आसली तरी लोक उमेदीन तश्योच आंगवणी करून पांच, सात, णव, इकरा, एकोणीस, एकवीस अशेतरेच्या गड्या नंबरांनी जाय तितले दीस दवरतात. कांय जाणांगेर उत्तरपुजा करून गणपती पावयनासतना तसोच दवरतात आनी पोरूंचो अंदू आनी अंदूचो फुडें अशेतरेन पावयतात.

दसरो : (आश्विन शुध्द दशमी)

दसऱ्या पयलींचे णव दीस म्हळ्यार, आश्विन शुध्द प्रतिपदा (पाडवो) ते आश्विन शुध्द नवमी (नम) 'नवरात्रां' म्हण मनयतात.

आश्विन शुध्द प्रतिपदे दिसा घटस्थापना करून णव तरेचीं धान्यां किल्लत घालतात. णवूय दीस त्या घटाक 'वाडट्यो माळो' घालपाच्यो आसतात. पयले दीस एक, दुसरे दीस दोन, ——————— णव्या दिसा णव अश्यो माळी घालतात.

गांवांत घटस्थापना करपाची चाल फकत भटां–बांमणांगेरूच आसा. तांगेर 'शिलांगणां' णव्या दिसा म्हळ्यार नमी दिसा पुजेक लायतात आनी दसऱ्या दिसा उठयतात. जाल्यार हेर जातींगेर शिलांगणां दसऱ्या दिसा पुजेक लावन दसऱ्या दिसाच उठयतात. शिलांगणां म्हण घरांतलीं खेत्रां आनी आवतां पुजेक लायतात. कांय गांवांनी कोंबो मारून शिलांगणां उठयतात जाल्यार आमोणें गांवांत ह्या खातीर नाल्ल फोडतात. दसऱ्या दिसा घरांत गोड–गोडशें रांदतात.

आमोणें गांवांत नमी दिसा मध्यानराती 'तांदळाचे मडकेंत' नव्या भाताचे तांदूळ घालपाची चाल आसा. ह्या वेळार सवायशीण मडकेची पुजा करून विडो दवरता. पूण हे पयलीं भायल्यान 'कुंडो' जमनीर रकयत घरांत येवपाचें आसता.

आश्विन शुध्द प्रतिपदेसाकून, आश्विन पौणिमेमेरेन खंयच्याय देवळांत प्रसाद–पाकळी जायना. ह्या दिसांनी म्हळ्यार नवरात्रांत देव ध्यानस्थ बशिल्ले आसतात, तांचेर संकश्ट आयिल्लें आसता असो समज आसा. देवांवयलें हें संकश्ट दसऱ्यादिसा निवारण जाता आनी आश्विन पुनवमेरेन खोशयेन देव उत्सव मनयतात असो समज आसा.

दसऱ्या दिसा सुरु केल्ल्या कामाक 'जैत' मेळटाच असो समज आसा. देखून नव्या उद्योग–धंद्याक दसऱ्या दिसाच सुरवात करतात. घराच्या बुन्यादिचो फांतोर मुद्दाम दसऱ्या दिसाच पुरतात. दसऱ्या दिसा लग्न जावपाखातीर मूर्त लागना. दसऱ्याचो दीस हो वर्सांतल्या साडेतीन दिसांच्या शुभम्हुर्तांपैकी एक दीस आशिल्ल्यान लग्न, मूज वा हेर कार्यांखातीर संबंद दीस शुभ आसता.

अयोध्येचो राजा रामचंद्र हाणें दसऱ्या दिसाच रावणाक मारून, शितेक सोडयल्ल्याचें सांगतात. पांडवांचो आज्ञातवास ह्याच दिसा सोंपलो, चांमुडीन महीषासुराचो ह्याच दिसा वध केलो अश्यो पुराणकथा मेळटात.

दसऱ्या दिसा चंद्रनाथ पर्वतार मोठो उत्सव जाता.

दिवाळी : (आश्विन वद्य चतुर्दशी ते कार्तिक शुध्द द्वितिया)

१) आश्विन वद्य चतुदर्शी – नरक चतुर्दस वा धाकली दिवाळी
२) आश्विन अमावास्या – लक्ष्मीपुजन

३) कार्तिक शुध्द प्रतिपदा – धिंडलो
४) कार्तिक शुध्द द्वितिया – भावबीज

केन्ना केन्नाय तिथींच्या बदलाक लागून नरक चतुर्दस आनी लक्ष्मीपुजन एकाच दिसा येता, तर केन्ना धिंडलो आनी भावबीज एकाच दिसा आयतात. जाचे कारण सदीं 'धाकलो' दीस दिसता.

१. नरक चतुर्दस वा धाकली दिवाळी :

नरक चतुर्दस वा धाकले दिवाळेच्या आदल्या दिसा, घरांतल्यो सवायशिणी उदकाचीं आयदनां घासून पुसून चितरायतात. 'कारीट' गुंतिल्ल्यो फुलांच्यो माळो त्या आयदनांक बांदतात. उदकान सजयल्लो घागर–कळसो घेवन पाणटयार / बांयचेर वतात. थंय दिवो पेटोवन दवरून थिंबो उदकांत सोडटात आनी मागीरच उदक भरतात.

नरक चतुर्दशीच्या आदल्या राती नरकासूराची प्रतिमा करतात. एकटो मनीस कृष्णाचो वेस घेता आनी मागीर कृष्ण – नरकासुराच्या पुध्दाचो खेळ करीत खूब नाचतात, फाटीं कृष्णाकडल्यान नरकासुराचो वध करून, ताची प्रतिमा लासतात. मागीर घरा येवन तेल–वटणीं लावन न्हातात. पूविल्ल्या काळार ताळकिळयाच्या बियांपासून घरचे घरा केल्लें वटणें आंगाक लायताले. आज बाजारांत मेळपी तयार वटणीं वापरतात.

न्हावन–धुवन नवे कपडे घालून देवाक दिवो पेटयतात. घरभर पणट्यो पेटोवन उजवाड करतात. फोग पेटयतात. सवायशिणीं ह्या वेळार दादल्यांक राट–दिवो दाखोवन वुंवाळटात. दादल्यांनी तांकां कितेंय तरी 'भेट' दिवपाची चाल आसा.

ह्या दिसाचें खाशेलेंपण म्हणजे फोवांपासून केल्ले खाणाचे तरेकवार प्रकार.

दिवाळे दिसा एकमेकांगेर फोव खावपाक वचपाची गांवांत चाल आसा. एकमेकांगेर 'फोवांची वाडीय' धाडून दितात.

२. लक्ष्मीपुजन :

ह्या दिसा लक्ष्मीची पुजा घरांनी करपाची चाल गांवांत हालींच सूरू जाल्या. ते पयलीं दुकानांनीच पुजा करताले. आमोणें गांवांत रावपी लोकांचीं चडशी दुकानां, केपें बाजारांत आशिल्ल्यान लक्ष्मीपुजनाचो चड बोवाळ केप्यां बाजारांतच आसता. लक्ष्मीची पुजा तिनीकात्रेंची करपाची आसता. तिका 'चिरमुल्यांचो' नेवेदय दाखयतात.

३. गोरवांपाडवो आनी धिंडलो :

कार्तिक शुध्द प्रतिपदे दिसा 'गोरवां पाडवो' मनयतात. ह्या दिसा गांवांत 'धिंडलो' नाचयतात.

ही परब 'गोरवां' आनी 'राखण्यांची'. पूर्विल्ल्या काळार गोरवां राखप वा गोरवां रानांत चरपाक व्हरप, हो गांवच्या भुरग्यांचे जिणेचो एक म्हत्वाचो भाग आशिल्लो. त्या वेळार ह्या पाडव्याक एक आगळेंच म्हत्व आशिल्लें.

ह्या दिसा फांतोडेर उठून गोरवांक न्हाणोवन सजयतात. तांचीं शिंगां आनी आंग सोबीत रंगान चित्रायतात. उपरांत घरांतलो जाण्टो न्हावन–धुवन अनवाळ्यांनी गोरवांची पुजा करता.

सगळ्यांत पयलीं 'नव्या दाव्यांची' पुजा करपाची आसता. उपरांत गोरवांच्या पायांर उदक घालून, फूल –कुंकूम–गंद ओंपतात. गोरवांच्या शिंगांचेर खोबरेल तेल घालपाचें आसता. तांच्या शिंगांक गोंडे बांदतात, गळ्यांत माळो घालतात. ह्या दिसांनी रोजां खूब फुलतात आशिल्ल्यान रोजांच्योच माळो तांच्या गळ्यांत चड दिसतात. शिवाय कागदाच्या गोंड्यांच्योय माळो घालतात उपरांत आरत दाखोवन तांकां 'सान्नां – पोळे – फोव' खावपाक दितात. गोरवांच्या फाटीवयल्यान नवें वस्त्र आनी विडो वुंवाळून वडयतात. हें वस्त्र आनी विडो राखण्याखातीर आसता. गोरवां सोडपाच्या वेळार तांच्या गळ्यांत सान्नां–पोळे गुंतून घालतात. तशेंच घरांतल्या एकट्या खंयच्याय गोरवाच्या गळ्यांत 'नाल्लाचें वळें' घालतात.

ह्या दिसा गोरवांकडल्यान कसलेंच काम करून घेनात, तशेंच तांकां मारनात.

गांवांत किरिस्तांवांगेरेय ह्या दिसा गोरवांची पुजा करतात. गोरवां पुजे उपरांत राखणे रानांत वचून गोरवां मड्डेर पावपाची वाट पळयत राविल्ले आसतात. गोरवां जशीं थंय पावलीं, म्हण्टकच ते तांकां आडावन तांच्या गळ्यांतलीं वळीं–सान्नां आनी माळो काडटात आनी घेवन गांवांत येतात.

थाण्यांतल्या वडाचे पोखलेंत 'धिंडल्याचो देव' (एक फांतोर) दवरिल्लो आसता. तो घेवन ते 'करमली पाणट्यार' वतात. थंय धिंणल्याची घुमटी (लाकडी मखर) सजयतात. धिंडल्याचो देव 'शेणाचेर' बसोवपाचो आसता. गोरवांच्या गळ्यांतल्यान काडिल्ल्यो माळो घालून धिंडल्याच्या देवाक सजयतात. 'दर्भाचीं पिसां' य घुमटेक लायतात. गोरवांच्या गळ्यांतल्या वळ्यांचो ह्या देवाक नेवेदय दाखयतात.

उपरांत धिंडलो घेवन गांवांत येतात. सगळ्यांत पयलीं तो जल्म्याच्या मठाकडेन नाचयतात. मागीर प्रत्येक जातीच्या मानाप्रमाण तांच्या दारांनी नाचपाक वतात. खुद्द आमोण्यांतल्या किरिस्तांवांच्या दारांनीय धिंडलो नाचता.

पयलीं कटोवाडो आनी खुद्द आमोणें हांचो धिंडलो एकूच आशिल्लो, आज वेगळे जाल्यात.

ह्या दिसा हिंदुंच्या दारांनी, आंगणांत 'शेणाचो गोठो' करतात. हो गोठो म्हणजे 'गवळ्याचें' घर मानून, तांतूत रांदचेकूड, देवाकूड, बसपाकूड अश्यो कुडी करतात. शिवाय गोरवांखातीर गोठो आनी तांचे शेण वडोवपाखातीर 'गायर' आसता. गोठ्यांत काट्टांचीं वा पणसांच्या खोलयांचीं गोरवां करून दवरतात. रांदचेकुडीत रांदन बी घालून ताचेर दूद–धंयाचें जेवण रांदतात. शिवाय 'गवळी' आनी 'गवळीण' (बावलें) करून दवरतात.

ह्या गोठ्याची, राखण्यान म्हणजे 'दिण्या भुरग्यांन' अनवाळ्यांनी पुजा करपाची आसता. थंय जेवण रांदून ताचो नेवेदय दाखोवपाचो आसता. गवळ्याक 'भुती' बांदून दिवपाचीच चाल

आसा.

धिंडलो नाचूंक गांवांत पांचेपयलीं गोठ्याची पुजा करूंक जाय.

आज गांवांत धिंडल्याचें म्हत्व पयलीं इतलें उरलें ना. 'करूंक जाय म्हूण करपाचें' इतलीच भावना उरल्या.

धिंडलो नाचोवंक घेवन येवपी राखण्यांक तांदूळ, नाल्ल आनी पयशे दितात.

गांवांत सगळ्या घरांनी धिंडलो नाचोवन जालो म्हणटकच राखणे परत म्हाजनांत येतात. देव सांगणें करून नाल्ल फोडटात. ह्या वेळार गांवकारच्या राखण्यांचेर 'धिंडल्याचो भार' दिता.

धिंडल्याचो देव वडाचे पोखलेंत दवरून राखणे पाणत्यार वचून न्हातात. देव वर्गी आनी फुलां प्रसाद म्हण वाट्टात. कांय वर्सां आदीं राखणे धंगच्यान मरळ घामडांत परत येवन आनी पुंजायिल्ले तांदूळ– नाल्ल घालून जेवण रांदताले. ह्या धिंडल्या जेवणाच्या प्रसादाक गांवभर लोकांक (किरिस्तांव लेगीत) आपोवणें आसतालें.

आज राखणे म्हणजे गांवचे भुरगे केन्ना फावता तेन्ना हें जेवण करतात. तांकां 'राखणे' म्हणपासारकीय आज परीस्थिती उरिल्ली ना.

धिंणल्या दिसा तिळसांजचो दारांतलो गोठो मोडून, शेण एकठांय करून ताचेर गवळ्यार दिवे पेटोवन दवरतात. गवळ्या–गवळीणीक पावयतात. दुसऱ्या दिसा त्या शेणाच्यो सात 'शेणयो' थापतात. 'रथसप्तमी' दिसा ह्या सात शेणयांच्या उज्याचेर आंगणांत 'पायस' रांदून ताचो सुर्याक नेवेदय दाखोवपाचो आसता. हो पायस 'धवो' म्हणजे दुदाचो करपाचो आसता.

धिंडल्या दिसा आमोणें गांवचे 'मडवळणीन' चंद्रवाडींतल्या हेर गांवांनी भोंवन '[illegible] सान्नां' पुंजावपाची चाल आसा.

४) भावबीज :

भावबीज ही भयण–भावाची खाशेली परब. ह्या दिसा भयणीन भावाक तेल–वटणें लावन न्हाणोवपाचें आसता. उपरांत ताका वुंवाळपाचें आसता. भावाच्या आवडीचे पदार्थ रांदून ताका खावपाक दिवपाचें आसतात. ह्या वेळार भाव–भयण एकमेकांक 'भेट' दितात.

एकातेंपार आमोणें गांवांत भावबीज करपाची चाल फकत भटा–बामणांगेरच आशिल्ली. आज ती हेर घरांनीय पावल्या.

तुळशी–लग्न : (कार्तिक वद्य द्वादशी)

तुळशी–लग्नाक गोंयांत 'व्हडली दिवाळी' अशेंय म्हणटात. तुळशी–लग्नाच्या पयल्या दिसा म्हळयार कार्तिक वद्य एकादशी दिसा तुळशी–लग्नाचें 'देवकारें' मनयतात.

एकादशी पयलीं तुळस (तुळशी वृंदावन) सारोवन सुरोवन रंग बी काडून सजोवपाची आसता. 'धेडी' म्हण एक ल्हान तुळस, व्हडल्या तुळशी कुशीकच तयार करतात. उसकांडो, फळां आशिल्लो आवाळे आनी चिंचेताळो तुळशींत पुरतात.

दुसऱ्या दिसा म्हळ्यार द्वादशीदिसा दनपारां तुळशीची पुजा करून नेवेदय दाखयतात. सांजवेळा जिन्यांच्यो बडयो वापरून तुळशी भोंवतणी माटोव घालतात. हो माटोव केळीचे गबे लावन सजयतात. तुळशीमदीं केळीच्या कांडयेचो कुडको लायिल्ली जिन्याची बडी पुरतात.

जांची तुळस 'उजयल्ली' आसता, ते भटाक हाडून 'अंतरपाट-मंगलाष्टकां' बी म्हणून पुजा करतात. हेर आपले आपुणच पुजा करतात. ह्या वेळार तुळशीक 'आंब्यापानांची' माळ घालतात.

लग्न लायलें तश्यो घरांतल्यो सवायशिणी तुळशीचें 'शेंसर' भरतात. जोडवीं पेटोवन तुळशीचे पांच भोंवताडे काडटात. सवायशिणींनी पयल्या दिसाच्यान म्हणजे कार्तिकी एकादशीच्यान व्रत धरिल्लें आसता, हें जोडवें पेटोवन ताची सांगता जाता. नव्यानच लग्न जाल्ले धुवेक आवयन जोडवें धाडपाची चाल आसा. ह्या व्रताच्या उपासाखातीर म्हण आवयन धुवेक 'फराळ' य धाडपाची चाल आसा.

तुळशीचें लग्न जातकच जमिल्ले लोक तिचेर 'गोवींदा ! गोवींदा ! ' म्हणत चिरमुल्यो घालतात. एकमेकांगेर वचून गोवींदा ! म्हणत चिरमुल्यो पुंजावपाची चाल आसा.

दुसऱ्या दिसा दीस उजवाडच्या पयलीं तुळशीकडेन केल्ली सगळी आरास निखळावन भायर व्हरून उडोवपाची आसता. त्या पारत्या शिरंगाराचेर सवायशीण बायलेची नदर पडप म्हळ्यार आयब मानतात.

तुळशीचें लग्न कृष्णाकडेन जाता आनी तिचें आयावपण फकत मध्यान रातमेरेन उरता असो समज आसा. तुळशीच्या लग्नाविशीं गांवांत एक काणी आयकूंक मेळटा. ती अशी :

राम-रावणाच्या युध्दांत जेन्ना रावणाच्या महापराक्रमी पुताचो, मेघनाथाचो जेन्ना लक्ष्मणान वध केलो तेन्ना रावण रागान सामको खुबळ्ळो आनी पाताळांतल्यान अहिरावण-महीरावण नांवांच्या दोन मायावी राकेस भावांक तांचेकडेन झगडूंक आपयले. ते दोगीय भाव येवन राम-लक्ष्मणाक बंदिस्त करून पाताळांत घेवन गेले. तेन्ना तांकां सोडोवपाखातीर मारूती तांच्या फाटोफाट पाताळांत गेलो. राम-लक्ष्मणाक अहिरावण-महिरावणान एका भुंयारांत दवरून थंय खर बंदोबस्त केलो. ते दोगीय स्वता भुंयाराच्या दारार राखूंक रावले. अशें परिस्थितींत राम-लक्ष्मणाक सोडोवन व्हरप कठीण आशिल्लें. त्या वेळार मारूतीन आपली तकली लडयली.

अहिरावण-महिरावण ह्या दोगींय भावांक 'तुळस' नांवाची एक बायल आशिल्ली. ती आपल्या घोवांच्या दुष्टपणांक विटिल्ली आनी रामाच्या रूपाच्यो-पराक्रमाच्यो खबरो आयकून मनांतल्या मनांत ताचेर भाळिल्ली. मारूतीक ही गजाल खबर आशिल्ली. तो तिच्या म्हालांत गेलो आनी ताणें तिका फुसलायली. रामाकडेन तिचें लग्न लावून दिवपाचें उतर दिवन तिच्या घोवांचें मरण कित्यांत आसा तें विचारून घेतलें. मात तिच्या म्हालांत आयिल्लेकडेन जर रामाचो कसलोय अपमान जायत तर राम तिचें आजल्म तोंड पाळोवपार ना अशी अटय घातली.

अहिरावण महिरावण हे काली देवीचे खर भक्त आशिल्ले. तांणी कोणाकूच कळचें ना अशेतरेन पाताळांत तिचें एक देवूळ बांदिल्लें. मदूतां फांतोडेर ते देवतेची पुजेक वताले. तांचो जीव ते देवतेचे मुर्तीत आशिल्लो. तिचे पुजेत कसलेंय विघ्न येत तर तांची शक्त नश्ट जातली आशिल्ली.

तुळशीकडल्यान खबर काडून मारुती रोकडोच पाताळांत गेलो, सुक्ष्म अवतार घेवन तो अभिशेकाच्या तुगांतल्यान कालीच्या देवळांत भितर सल्लो. देवतेची मूर्त काडून ताणें तुगांत बुडयली आनी आपुण देवतेचे मुर्तेच्या जाग्यार बसलो.

सदचेभाशेन दोगीय राकेस भाव पुजेखातीर देवळांत गेले. तांणी देवतेक दुदाचो अभिशेक घालूंक सुरवात केली. तेन्ना तांकां आजाप जालें कारण देवतेच्या माथ्यार घाल्लें दूद सकयल पडनाशिल्लें, तर देवता तें पियेताली. ते अजापान देवतेक नियाळूंक लागले. त्याच वेळार मारुतीन महाकाय रूप घेवन तांचो वध केलो.

मारूतीन तुळशीक उतर दिल्याप्रमाण रामान तिचेकडेन लग्न जावंचेंच पडटलें आशिल्लें. पूण रामान एकपत्नी व्रत स्विकारिल्ल्यान तो तिचेकडेन लग्न जावंक शकनाशिल्लो. हाका लागून मारूतीनच मार्ग काडलो. तो एका भोंवराचें रूप घेवन तुळशीच्या म्हालांत गेलो आनी तिच्या पलंगाचे चारीय खूर ताणें पोखरून दवरले . रातची सजून शिंगारून तुळशी रामाची वाट पळयत आपल्या म्हालांत बसली. राम भितर येताच तिणें ताका मोगान येवकार दिलो आनी ताका आपल्या पलंगार व्हरून बसयलो. रामान पलंगार कुलो तेकयलो मात, पलंग 'धड्डाम' करून मोडलो आनी राम सकयल पडलो. तेन्ना रामान तिका सांगलें, तुज्या म्हालांत आपलो अपमान जालो, देखून आपूण आजल्म तुजें तोंड पळोवपार ना म्हण.

आता तुळशीच्या तकलेंत उजवाड पडलो, आपल्याक फटयला म्हणपाचें उमजून ती रडूंक लागली. मागीर रामाक तिची काळकूट दिसली. ताणें तिका समजायली. ह्या जल्मांत आपणें एकपत्नी व्रत घेतलां पूण दुसऱ्या जल्मांत म्हणजे कृष्ण अवतारांत एके रातीखातीर बायल म्हण तुजो स्वीकार करतलो अशे वचन तिका दिलें.

तुळस आनी कृष्णाच्या एका दिसाच्या लग्नाची याद म्हण 'तुळशी–लग्न' करतात अशें समज आसा.

तुळशीचें लग्न विठोबाकडेन जाता अशेंय मानतात.

तुळस हें पुराणांत मेळपी महापतिव्रता वृंदाचें प्रतिक अशेंय कांय जाण मानतात.

मकरसक्रांत :

ह्या दिसा सुर्य मकर राशींत प्रवेश करता.

गोंयासारकेंच महाराष्ट्रांतय हे परबेक 'मकरसक्रांत' अशें म्हण्टात. कर्नाटक आनी तामीळनाडूत हे परबेक 'पोंगल' म्हण्टात.

मकरसंक्रांत चडकरून जानेवारी म्हयन्याच्या १४ तारखेक येता, मात केन्ना केन्ना एकाद्रो दीस फाटीं–फुडें जाल्लो दिसता.

सुर्य एके राशींतल्यान दुसरे राशींत संक्रमण करता, ताका 'सक्रांत' अशें म्हण्टात. राशी सगळ्योच बारा आसात आनी प्रत्येक म्हयन्यांत सुर्य एके राशींतल्यान दुसरे राशींत वता म्हण वर्साक सगळ्योच बारा सक्रांती येतात. मात जेन्ना आषाढ म्हयन्यांत 'कर्कराशींत' आनी पौष म्हयन्यांत 'मकरराशींत' प्रवेश करता, ते दीस म्हत्वाचे म्हण मानतात. कारण कर्कसंक्रमण दक्षिणायनांत आनी मकरसंक्रमण उत्तरायणांत जाता.मकरसंक्रमणाचो दीस सगळ्यांत पुण्यप्रद मानतात.[१]

गांवांत सगळ्यांगेर ह्या दिसा पुरसाची पुजा करून 'उपाराचो' नेवेदय दाखयतात. काकोळ घालतात. हे एके संक्रांतीक जर कावळ्यांक काकोळ घालीत तर वर्साच्या बाराय उमाश्यांक काकोळ घालपाची गरज नासता अशें मानतात. ह्या दिसा तिळसांजा 'तव्यार भाकरी भाजून' ती घराच्या पाडसार वडोवपाची चाल आसा. गांवच्या भटां–बामणांगेर ह्या दिसा 'तिळांचे लाडू' वा 'तिळगूळ' वांटपाची रीत आसा.

शिगमो : (फाल्गून पौर्णिमा ते फाल्गून वद्य द्वितीया)

शिगम्याची परब तीन दीस आसता. पयल्या दिसा 'मेळ', दुसऱ्या दिसा 'होळी' आनी तिसऱ्या दीसा 'गडे'. गांवांत ह्या शिगम्याक 'धाकलो शिगमो' अशें म्हण्टात.

तीस–चाळीस वर्सांआदी आमोणें गांवच्या लोकांमदीं शिगम्याचे परबेची आगळीच उमेद दिसताली. शिगम्याक आठ–धा दीस आसा म्हळ्यार मांडार खेळाची तालीम करताले. उपरांत नमन घालून खेळगडे चंद्रवाडींतल्या हेर गांवांनी खेळूंक भायर सरताले ते बद्द चतुर्दशी दिसा गांवांत भितर येताले. तांच्या जेवणा–खाणाची आनी न्हिदपाची वेवस्था त्या त्या गांवच्या लोकांचेर आसताली. हेर गांवच्या मेळाकय आमोणें गांवांत हेच पध्दतीन येवकार मेळटालो. तोणयामेळ, गोफ, तालगडी, काकाड्यां–नाच हीं नृत्यां पयलीं आमोणें गांवच्या मेळाचें खास आकर्शण आशिल्लें.

आज आमोणें गांवचो मेळ दुसऱ्या गांवांत खेळूंक वचना, तशेंच फकत शेजारच्या अवेडें गांवचोच एक मेळ पुनवेच्या आदल्या दिसा गांवांत खेळूंक येता. दोन मेळ एका गांवांत आसूंक जायनात म्हण आमोणेचो मेळ त्या दिसा मुळघुडी कट्यार वचून रातभर थंय धोल बडयत रावता. अवेडेचो मेळ जेन्ना गांवचे शिमेभायर वता तेन्नाच तो गांवांत परतो येता.

१. पुनव : (फाल्गून पौर्णिमा)

ह्या दिसा सांजेच्या अदमासाक गांवचो मेळ 'गांव खेळूंक' भायर सरता. गांवांतल्या प्रत्येक जातीच्या मानाप्रमाण तांची घरां खेळपाचीं आसतात. पयलो मान गांवच्या म्हालजल्याक. मेळाक आयिल्ल्यांक खावपाक वांट्टात. तशेंच पांच नाल्लांची 'तळय' दितात.

ह्या दिसा घरात गोड -गोडशें रांदतात. घरांतल्या मानश्याक आनी गांवच्या वर्सकाराक ह्या दिसा कडक उपास घडटा. दुसऱ्या दिसा होळयेक नाल्ल मारूनच गांवकाराची उपास सुटटा, तर हेर खेळून येवन आपल्या पुरसाक वाडी दाखयतकच हेरांची उपास सुटटा.

हिंदूचीं घरां खेळून जातकच मुदत आमोण्यांतलीं किरिस्तांवांचीं घरां खेळटात. निदान म्हणसर फांतोड जाता. मेळ मागीर सगळ्या वाटेर 'रोमट' करीत आयाडे पावतात [illegible]. घराक जितले दादले भुरगे आसात (आणाक एक) त्या प्रमाण प्रत्येक घराचे नाल्ल कोडतात. पंयच्यान जल्म्याच्या गठांत वचून सांगणे करतात आनी एकमेकांक 'खेम-गळी' दिवन 'राम-राम' म्हणत कांय वेळ नाचतात आनी मागीर घरा येतात.

मेळाचे गडे घरा परतले म्हणटकच जेवण रांदून पुरसाक वाडी दाखयतात. हे पयलेंच 'वडे' करूंकच जाय अशें मानतात. 'पुरसाचो नाल्ल' य ह्याच वेळार बदलतात.

२. होळी : (फाल्गून पौर्णिमा ते फाल्गून वद्य प्रतिपदा)

पुनवेच्या दुसऱ्या दिसा होळी. कांय गांवांनी होळी पुनवेची आसता.

आमोणें गांवांत होळी कापतना (झाड) पुनव मेळूंक जाय आनी होळी नाचयतल्या गाडयें आसूंक जाय. आमोण्यांतली होळी ही चंद्रवाडीच्या बावीस गांवची होळी अशें मानतात. पयलीं चंद्रवाडीच्या बावीसय गांवचे लोक हे होळयेक नाल्ल मारूंक येताले.

होळयेखातीर एक 'आकवार आंबली' (फळ येनाशिल्लें आंब्याचें झाड) कापतात. गांवच्या कोणाल्याय मालकेचें झाड कापूं येता. झाडाक पयलो घावो गांवकारान मारपाचो आसता. वाजप लावन नाचयत होळी गांवांत घेवन येतात. होळी म्हणजे एके राकशीणीचें प्रतिक, ते राकशिणीचो ह्या दिसा वध केल्लो असो समज आसा.

होळी खूब वेळ उमेदीन नाचयतात. येतल्या वतल्यांक 'होरगयो' घालतात. आंकवार-काजाऱ्यांची सर्त लागता. शेवटाक दनपारकडाचेर पाडवो लागलो तशी होळी लेमाकडेन व्हरतात.

लेमांत घालचे पयलीं होळयेक थोडें करड आनी चुड्ट्यो बांदतात. पयल्या वर्साची होळी मोडून तिचीं लाकडां मुळांत घालतात. तसेंच कोणायल्याय पोरसांतल्यान फरावन हाडिल्लीं पणस-केळीं बी होळयेमुळांत घालतात. गांवकार 'पांच वडे' आनी 'एक नाल्ल' गुंतून होळयेक बांदता.

गांवचो भट होळयेची पुजा करून तिका 'अग्नी' दिता. होळयेन पेट घेतलो तसो सगळ्यांत पयलीं गांवचो वर्सकार होळयेक नाल्ल मारता, उपरांत जमिल्ले हेर लोक.

होळयेक बांदिल्ले वडे तुटून सकयल पडटकच ते पुंजावन गांवकार ताचे कुडके करता आनी जमिल्ल्यांक प्रसाद म्हण वांट्टा. तशेंच मुळांत घाल्लीं केळीं आनी पणसय काडून ताचे सारके वांटे करून गांवच्यांक वांट्टा. होळयेक मारिल्ले नाल्ल मात म्हारान व्हरपाचे आसतात. ते खातीर कोठंबी

गांवच्यान मुद्दाम म्हार येता.

होळयेक ब्रांदिल्ल्या करडाचो गोबोर 'बिबूत' म्हण कपलाक लावन सगळे जाण पाणट्यार वचून न्हातात. थंयच्यान 'सांतेरी– धड्यार' वचून गांवचे राखणेखातीर सांतेरीक गाराणें घालतात आनी घरा परततात.

आज कटोवाडो आनी खुद्द आमोणें हांच्यो होळयो वेग–वेगळ्यो जाल्यात तरी कटोवाड्चावयली होळीय वयर सांगल्या तेच पध्दतीन जाता. होळी लासून न्हावन येतकच तेवूय तांचे सांतेरीक गाराणें घालतात.

होळयेदिसा सांजवेळा गांवचे लोक म्हालखेत्र्याक वर्सावळीची 'दर' दितात. हे दरेचो वा जोगणीचो कोंबो थाणगी कापता जाल्यार चंद्रेश्वर–भूतनाथाच्या नांवांन दिवपाचो नाल्ल त्या वेळार गांवकार फोडटा. कांय घरांनी 'सांगोड' दिवपाची चाल आसा.

कापिल्ल्या कोंब्याची 'शेश्टी' थाणगी आपल्याक दवरता जाल्यार धड घरा हाडून ताची शागोती करून खातात.

खावपाखातीर हरशीं लेगीत कोंबो मारपाचो जाल्यार तो खुंटयांतच मारूंक जाय अशी आमोणें गांवात चाल आसा. तशेंच कोंबो आनी कोंबी वांगडा मारल्यार एक व्हेंवर कापिल्ल्याचें पातक लागता असो गांवांत समज आसा.

होळये रातचें गांवांत 'गांवपण' आसता.

३. गडे : (फाल्गून वद्य द्वितिया)

ह्या दिसा गांवच्या कांय गड्यांचेर भार येता. हे भार गड्या नंबरानच येतात.

भट–बामण सोडून गांवांत जितल्यो जाती आसात तितल्याय जातींच्या निदान एकट्याचेर तरी भार येताच. एका तेंपार काकोडें गांवांत रावपी म्हार जातींतल्या कांय जाणांचेरूय भार येतालो. ज्या मनशाक 'जाणभास' येता असल्याचेरूच हो भार येता.

जाचेर भार येवपाचो आसता ताणें त्या दिसा सामको अनवाळो रावपाचो आसता. तसो रावलो ना जाल्यार ताचे कुडीक त्रास जातात अशें सांगतात.

सकाळफुडेंच सगळे 'गड्यांच्या मांडार' जमतात. थंय धोल–ताश्याचें रूद्र वाजप वाजयतात. देवाक गाराणें घालून ''हर ! हर ! हर ! '' म्हणत शेंसर मारतात आनी गड्यांक बेगीन येवपाखातीर होरायतात, मागीर एक एक गडो येवपाक लागता.

सगळ्यांत पयलीं येता गांवकारांचो गडो. उपरांत हेर आप–आपल्या माना प्रमाण येतात. गडो आयलो तसो ताका सगळ्यांनी धरचो पडटा. ताका घेवन मांडाचे 'पांच भोंवताडे' काडटात आनी मागीर गड्याक आंब्यामुणात व्हरून न्हिदयतात. ह्या वेळार ताच्या माथ्याचो मुंडासो सोडोवन कमराक बांदतात. आनी कितेंय कपडे आंगार आसल्यार ते झाडाचेर हुमकळायतात. पांच – धा

गिनटां गडे एके भार्यानिल्ले अवस्थेंत असतात. अशान तांकां [illegible]

सगळे गडे आयले तशें मांडावयले यातय थांबोवन [illegible]. [illegible] ताळयो एके खोशेले पध्दतीनच वा मोवपाच्यो आसतात.

सगळ्यांत पयलीं उठ्ठा गांवकाराचो गडो. मागीर हेर सगळे [illegible] उठ्ठात आनी एके वोळीन मसण्णेंत वचूंक भायर सरतात. तांच्या [illegible] हेर दादलेय वतात. ते ह्या वेळार म्हण्टात,

मसणा वचपा बाट बाबू
आपल्या गड्यांक आपुण मांबाळ !

मसण्णेंत वचून गडे थंयच्या हापशाक गाराणें घालतात आनी थंय दवरिल्लें 'मसण' घेवन थाण्यांत वतात. गड्यांखातीर थंय कांय माड राखून दवरिल्ले आसता, त्या माडांचे [illegible] काडून तांकां दितात. कांय कोंडेय मारून प्रत्येकाक एकेक दांडो करून दितात. [illegible] मसण त्या दांड्यार हुमकळावन गडे मागीर गांवांत भितर सरतात.

मसण्णेंतल्यान गडे थेट मांडार वतात. थंय एकमेकांचेर 'धुल्ल' मारून 'धुळवट' खेळटात. उपरांत हेर दादलेय धुळवट खेळूंक लागतात. आज धुल्लाचो जागो जरी [illegible] घेतला आसलो तरी परंपरा म्हण सुरवात धुल्लानच जाता.

गड्यांक कोणायलीय कसलीय वस्त भायर मेळ्ळ्यार ते ती घेवन वतात आनी [illegible] व्हरून वडयतात. तशेंच कोणीय बायल मनीस वाटेर मेळ्ळ्यार तिचेर ते धुल्ल उडयतात. ह्यो गजाली घडप म्हळ्यार वायट अशें मानतात.

ह्या दिसा गड्यांच्यान कोणायल्याय पोरसांतलीं फळां काडून व्हरूं येतात. पणस, केळीं, पोपायो बी लोक मुद्दाम गड्यांखातीर आपल्या झाडार सांबाळून दवरतात. गड्यांक केळीं, [illegible], सोरो दिवपाच्यो आंगवणी करतात.

गांवांत थोडो वेळ भोवल्या उपरांत गडे परत मसण्णेंत वतात आनी मसण परत दवरून येतात. येतना तांकां वाटेर कोंबो आनी केळीं भाजून दितात.

मसण दवरूंक वच्चे पयलीं गडे मांडार थोडो वेळ नाचतात, त्या वेळार हेर गडे म्हण्टात,

ताळी पेटा, भोबे भाजा !
ताळी पेटा, भोबे भाजा !

मसण दवरून येतकच कांय वेळ गडे मांडार परतून नाचतात. ह्या वेळार खूब पोज्डी उतरां उलोवपाची चाल आसा.

शेवटाक गड्यांक न्हाणयतात. जित्या चुडटाचें एक 'मल्ल' गांवकारान मांडार व्हरून

दवरिल्ले आसता. गडे तें मल्ल माथ्यार घेवन नाचतात. नाचता नाचता गांवकार तांच्या माथ्यार थंड उदकाचो कळसो वोत्ता आनी एकाएका गड्याक मल्ला पोंदच्यान काडटा.

हो विधी जाल्या उपरांत गड्यांच्या आंगावेलो भार निवळटा.

उपरांत सगळे एक जावन पाणट्यार वचून न्हातात. पाण्ट्यार ह्या वेळार गांवकार घराण्याची 'मागील पुरवण' करपाची आसता. एक 'कोंबो' आनी एक 'फळ' गांवकार ह्या वेळार दिता. हो कोंबो थंयच भाजून खातात.

भोंवर :

गड्या दिसाच रातची 'भोवर' आसता. घरां–घरांतले (भट–बामण सोडून) सगळे जाण्टे दादले भोंवरीक वतात. भोंवरीक वतल्या प्रत्येकान एक 'दांडो' बरोबर व्हरपाचो आसता. तिळसांज म्हळ्यार सगळे जाण मुळघुडी कट्यावयल्या खुंटयेभाटांत आशिल्ल्या तळपार जमतात. थंय खावप–पिवप ह्यो गजाली जातात. कोणायविशीं वर्सभर मनांत दांबून दवरिल्लो राग, झगडीं, किजिलां ह्या वेळार उस्तून वयर सरतात. केन्ना–केन्नाय मार–फारूय जाता. उपरांत हेर लोक मध्यस्ती करून झगडीं मेटयतात. भोंवरीन सगळीं झगडीं सोंपोवपाचीं आसतात अशें गांवचे मानतात.

मध्यान राती गांवांत भोंवर भितर सरता. कट्यावयल्यान भोंवर उठ्ठना सगळ्यांत पयली गाळ चंद्रेश्वर देवाक मारतात. देखीक : ये चंद्रेश्वर देवाल्या ×××× ! अशें एकटो म्हण्टा ताका बाकीचे ''कूंयऽऽऽ !'' अशें म्हणत साथ दितात. अशेतरेन सगळ्या देवांचीं नांवां घेवन मागीर दर घरांतल्या एकट्या तरी दादल्याक अशे तरेन 'कुल्यो' घालतात. बायलांचीं आनी भुरग्यांचीं नांवां घेवपाचीं नासतात. मात शेंसेच्या बायलेचें नांव घेवूं येता.

भोंवरी दिसा घरांतल्या भुरग्यांनी आनी बायलांनी भायर सरूंक जायना. भुरग्यांक ते दिसा बेगीन न्हिदयतात.

भोंवर गांवांत पावतकच घरांतले जाण्टे बायलेन 'तीन कोनशांचो कोयर' सुपांत भरून रस्त्यार व्हरून वडोवपाचो आसता. मात भोंवर तिका सांपडची ना हाची तिणें दखल घेवंक जाय. तिणें येतना फाटीं वळून पळोवंक जायना. रस्त्यावयलो कोयर माड्डीत भोंवरीन मुखार वचूंक जाय.

भोंवर विसर्जन जावन न्हाल्या उपरांत प्रत्येक जाण आप–आपल्या तुळशींतलो नाल्ल घेवन खुंटयांत वतात. थंय खुंटयेक गाराणें घालतात आनी शिमो दाळून नाल्ल न्हयेंत वडयतात आनी घरा परततात.

भोंवरीन शिगम्याची परब सोंपता, मात फाल्गून वद्य एकादशीच्यान पांच दीस मेरेन मुळघुडी कट्यार 'व्हडल्या शिगम्याचो' उत्सव जाता.

भोंवरीक गाळी मारतात म्हण कोणेच हांसूक जायना वा अपशब्द उच्चारूंक जायना असो समज आसा. अशें घडल्यार तांकां वायट भोंगता अशें मानतात. हे विशीच्यो जायत्यो गजाली

गांवांत आयकूंक मेळटात. था-पंदरा वर्सां आदीं [illegible] एक [illegible] बायल [illegible] हांसली. तेन्ना दुसरी दीस उजवाडटा म्हळ्यार [illegible] (आर्थिक दुर्देश जाता). [illegible] दोतोर-वखद केलें पूण ती निवळना जाली त्या वेळार तिका [illegible] जाली. तिणें बेगोबेग येवन आमोण्यांतले म्हाळसांचे कडेन [illegible] जाल्याचें सांगतात. आता ती बायल दरवर्सा [illegible]

उत्सव

रामनम : (चैत्र शुध्द नवमी)

ह्या दिसा चंद्रनाथ पर्वतावयल्या श्री चंद्रेश्वर देवाच्या देवळांत आनी [illegible] श्री दत्तात्रयाच्या देवळांत रामजल्माचो उत्सव मनयतात. ह्या दिसा रामाचे मुर्तीक पाळण्यांत घालपाचो सुवाळो जाता.

चंद्रेश्वर देवाची जात्रा : (चैत्र पौर्णिमा)

आमोणें गांवचोच न्हय तर आख्खे चंद्रवाडीचो सगळ्यांत उमेदीचो उत्सव. ह्या उत्सवाक लोक आपल्या सोयऱ्या-धायऱ्यांक गोठ्या आग्र्यान आपयतात. घरांत भोंड - [illegible] म्हातारीं-कोतारीं लेगीत गोठ्या भावार्तान ह्या दिसा पर्वत चडून देवाचे भेटेक वतात

हो जात्रेचो उत्सव दरवर्सा चैत्र शुध्द एकादशीन सुरू जाता आनी चैत्र पुनवेक सोंपता. उत्सवाच्या पांचूय राती देवळांत भजन, किर्तन, आरत्यो, पालकी आनी मनोरंजनाचो [illegible] कार्यावळी जातात. पांचवे राती 'रथ' आसता.

चंद्रेश्वर देवाच्या रथाक पयलीं 'सात माडयो' लागताल्यो. तांतली सगळ्यांत उंचायेर आशिल्ली माडी फातर्पेच्या श्री. शांतादुर्गा कुंकळकान्नीन मागली तेन्नाच्यान रथाक '[illegible] माडयो' लागतात.

निमाण्या दिसा देवळांत रातचें भजन – किर्तन – पुराणवाचन अशे कार्यक्रम जाल्या उपरांत 'दिवजां' जातात. थळांतल्या जल्म्याच्या मठांत पाड्डेकार देसायांच्या धुवांची दिवजां पयलीं येतात मागीर सिध्दभैरांवाच्या देवळाकडल्यान 'मुळें' आनी 'तळवडें' गांवच्या गांवकारांच्या सवाशिणींचीं दिवजां भायर सरून वयर चंद्रेश्वराच्या देवळांत येतात आनी मागीर भूतनाथाच्या देवळांत वचून विसर्जन जातात.

दिवजां जातकच पालकी भायर सरता. पालकी देवळांत परतता म्हणसर फांतोड जाता. मागीर पालकेंतली देवाची मूर्त काडून रथांत बसयतात. भट रथाची पुजा करता. ह्या वेळार रथाच्या चक्राकडेन एका बोकड्याचो बळी दितात. बोकड्याच्या रगतान 'चोरू' कालोवन तो

देवळाच्या सभोवतणी शिपडायतात. उपरांत भट रथाच्या चक्रार गारून नाल्ल फोडटा. भटान नाल्ल मारतकच 'आठ देसाय' आनी 'णव नाडकर्णी' हेवूय नाल्ल मारतात. मागीर ''हर हर महादेव'' अशी गर्जना करीत रथ वोडटात. ह्या वेळार जात्रेक आयिल्ले लोक रथार फुलां–केळीं–लाडू–नाल्ल बी मारतात. देवळाच्यो पांच प्रदक्षणां काडून रथ थांबता.

रथान चैत्रपुनवेच्या उत्सवाची सांगता जाता.

वसंत पुजा :

(चंद्रनाथ पर्वतार वसंतपुजा वैशाख वद्य पक्षांतल्या खंयच्याय एका सोमाराक करतात. पाड्डेच्या इगर्जेच्या फेस्ताच्या दुसऱ्या दिसा जो सोमार येता, तोच सोमार चड करून विचारांत घेतात.)

वसंत ऋतूंत फळां–फुलांक भार आयिल्लो आसता. ह्या ऋतूविशीची आपली कृतज्ञता व्यक्त करपाच्या उद्देशान गोंयच्या जायत्या देवळांनी, आनी घरांनीय वसंतपुजेचो उत्सव मनयतात.

एकातेंपार चंद्रेश्वराच्या देवळांत वसंतपुजेचो उत्सव मोठ्या प्रमाणार जातालो. ह्या उत्सवाचें खाशेलेंपण म्हणजे, हे पुजेक ह्या ऋतूंत जितलीं फळां–फुलां जातात तितलींय हाडपाचीं आसतात. फळां वांगडा 'उसळेचो' नेवेदय दाखयतात.

कट्यावयल्या श्री. दत्तात्रयाच्या देवळांतय वसंतोत्सव मोठ्या प्रमाणार मनयतात. वैशाख पुनवेचो दीस ह्या खातीर थारायिल्लो आसा.

गोकुळाष्टम : (श्रावण वद्य अष्टमी)

श्रावण वद्य अष्टम हो कृष्णाचो जल्म दीस म्हण मनयतात.

ह्या दिसा रातच्या बारा वरांच्या अदमासाक कृष्णाचे मुर्तेक पाळण्यांत घालतात. पुजा, भजन, कीर्तन, गायन अशें रातभर चलता. सहस्त्र तुळशी (तुळशीच्यो कोगऱ्यो) ओंपून कृष्णाची पुजा करतात. गोकुळाष्टमीक फोवांचे तरेकवार प्रकार रांदतात.

आमोणें गांवांत फकत भटांगेरूच गोकुळाष्टम मनयतात. मात फराळाक गांवभर लोकांक आपोवपाची चाल आसा.

दसरो : (आश्विन शुध्द दशमी)

चंद्रेश्वर देवस्थानांत दसऱ्याक मोठो उत्सव जाता. नवरात्रांनी घटस्थापना करून देवाक

'वाडल्यो गाळी' घालतात. कुंभारजुवेंच्या केळकरें घराण्यान दवरिल्ले [illegible] ना म्हूण नाचोवपाचो उत्सव णवूय दीस मेरेन आसता. ह्या उत्सवाखातीर ताः केळकरें घराण्यान कांय जमनीचें उत्पन्न सोडिल्लें आसा. णवूय दीस रातीं देवळांत पुराण, कीर्तन, आरत्यो [illegible] असल्यो कार्यावळी जातात. ह्या णवूय दिसां पाड्डेचे फळदेसाय एका देवपणाची [illegible] करून उत्सवाचें यजमानपण चलयतात.

नवमी दिसा चंद्रेश्वर भूतनाथाक रंगपूजा बांदून दनपारचो थट उरयतात. ते रातीं [illegible] जल्याच्या देवळांत चंद्रेश्वर भूतनाथाचीं तरंगां शिंगारतात. दोनीय देवांचे एक एक तरंग [illegible] उपरांत थंय दोनय देवांच्या अवसरांक येवपाखातीर होरायतात. अवसर [illegible] वाजय–गाजयत तरंगांसयत वयर चंद्रेश्वराच्या देवळांत व्हरतात. थट दवरिल्ल्या [illegible] तरंगां उबीं करतात. आरत्यो प्रसाद जावन नवमीच्या उत्सवाची सांगता जाता.

नवरात्रांत णवूय दीस अवेडेच्या भगतान 'चीर' न्हेसून पांयांत घागऱ्यो बांदून, [illegible] वाजयत भूतनाथा मुखार नाचपाची चाल आशिल्ली. आज मात ही चाल बंद पडल्या. नवमी दिसा सांग्यावेलो गोंसाय येवन आपलें त्रिशूळ पुरता.

दसऱ्या दिसा दनपारां थळांत अन्नसंतर्पण जाता. उपरांत खांबाकडेन तरंगां [illegible] उबीं करतात. थंय भगतान 'लिमचो' ह्या खास शस्त्रान कोंबो कापपाचो आसता. उपरांत धोल–ताशाच्या आनी हर हर च्या गजरात चंद्रेश्वर–भूतनाथाच्या अवसरांक येवपाखातीर होरायतात.

अंवसराकडल्यान कौल घेवपाचो पयलो मान पाड्डेच्या देसायांक. उपरांत हेर म्हाजन आनी बाकीचे लोक घेतात. भूत–पिशाच्यांची बाधा जाल्या अशे समजल्ल्यांक, तांच्या आंगांतल्यान तीं काडपाखातीर ह्या वेळार अंवसरां म्हऱ्यांत घेवन येतात.

थारावीक वेळ मेरेन लोकांक कौल दिवन अंवसर पर्वत देंवतात. तांच्या बरोबर चंद्रेश्वराची पालखीय भायर सरता. दोनींय अंवसरांवांगडा गोंसायय आपलें त्रिशूळ घेवन तांचे [illegible] जावन तांचे बरोबर पर्वत देंवता. हर ! हर ! म्हणतच हेर मानकरी तांचेबरोबर चलतात.

वर्साक एकदांच, दसऱ्यादिसा चंद्रेश्वर देव आनी ताच्या भयणीची म्हळ्यार श्री. शांतादुर्गा कुडतरकान्नीची 'मेळामेळ' जाता. ह्या मेळामेळीखातीर चंद्रेश्वरदेव आपल्या सेवकासयत म्हणजे भूतनाथासयत पर्वत देवन सकयल येता जाल्यार कुडतरकान्न (पयलीं कुडतरच्यान येताली, आज अवेडें–घुड्यावयल्यान येता ती आपलें देवूळ सोडून वाट माड्डीत मुखार येता. तांची मेळामेळ आज 'पाड्डे बाजारांत' जाता आसली तरी १५६७ मेरेन ती पाड्डें आनी कुडतरे गांवचे शिमेर जाताली.[२] ताजेवयल्यान त्या भागाक 'गुडी' नांव पडलें आनी ज्या जाग्यार मेळा–मेळ जाताली थंय आजय 'कौलांमळ' म्हण वळखतात. हो जागो गांवच्या लोकांनी आजय मेकळो दवरिल्लो आसा.

चंद्रेश्वराच्या देवळाकडल्यान 'थळ' मेरेन पालखी तळवडेच्या गांवकारांनी हाडपाची आसता, उपरांत पाड्डेचे बाजारकार ती घेतात. दोनय तरंगां शंखभैरांवाच्या देवळामेरेन पयलीं नावेकार हाडटाले, उपरांत आमोणेचे शेटकार तीं धरताले.

शंकरभैरांवाच्या देवळांतल्यान अंवसर 'गोंसायां–नमशींत' वतात. थंय मुळेकारांक कौल

दिवन पाड्ड्या बाजारांत येतात. गोंसायां–नमशींत पालखी येवन गेल्या शिवाय थंयचें शेत लुंवपाक उतर मेळना असो समज आसा.

पाड्डें आनी अवेडें ह्या दोनय गांवच्या मदल्यान वचपी कुशावती न्हंयेचेर पयलीं पूल नाशिल्लो. एका गांवच्यान दुसऱ्या गांवांत वतले जाल्यार तारीन वच्चे लागतालें. पाड्ड्या बाजारांत आज जंय मेळा–मेळ जाता थंय एका काळार बंदर आशिल्लें. थंय बंदरार वचून चंद्रेश्वर–भूतनाथाचे अंवसर आपले भयणीची म्हणजे कुडतरकान्नीच्या अंवसराची वाट पळयत रावतात.

अवेडें गांवच्या 'घुडो' नांवाच्या वाड्यार श्री शांतादुर्गा कुडतरकान्नीच्या देवळांत सांजेच्या पांच वरांच्या अदमासाक अंवसर काडटात. थंयच्या थळाव्या लोकांक कौल–बिबूत दिवन आपल्या भावाच्या भेटेक वचूंक देवता (अंवसर) भायर सरता. अंवसरा बरोबर देवतेची पालखी आनी थळाव्या देवांचे 'सात' भार येवपाचे आसतात. कुडतरकान्नीचो भार 'भगत' घराण्यांतले कुडीचेर येता.

चंद्रेश्वर–भूतनाथ तसोच कुडतरकान्नीचो अंवसर वाटेर थारावीक जाग्यांनी थांबून कौल दिता. थंयचे लोक ह्या जाग्यांनी तोर्ण बी बांदून सजावट करतात, दिवली बी पेटोवन दवरतात.

तार हुंपून कुडतरकान्नीचो अंवसर आलतडीन येता आनी धांवत वचून आपल्या भावाक (चं. अंवसराक) वेंग मारता. ह्या वेळार भूतनाथाचो अवसर तांच्या पांयांकडेन लोळणी घेता. भाव भयणीक 'खण–कापड' दिता आनी भयण भावाक 'धोतर–जोडो ' दिता. भूतनाथाच्या अंवसराकय भयण 'विडो' दिता. हें सगळें इतक्या वेगान घडटा की एका एका वेळा म्हऱ्यांत आशिल्ल्याकय 'मेळा–मेळ' केन्ना जाली तेच कळना..

मेळा–मेळ जाली तश्यो तिनीय भारांच्यो कुडी लाकूड कश्यो घट जातात. मुखावयले वाटेर तांकां जवळ–जवळ उबारूनच व्हरचें पडटा.

फाटल्या चवदा वर्सांसाकून मेळा–मेळ जायना. चंद्रेश्वराचो भार येवपी श्री. रवींद्र गुरव हांची कूड भायर पडत सावन चंद्रेश्वराचो अंवसर येवप बंद जाल्लें. १९८७ वर्साच्यान तांच्याच पुताचेर म्हणजे श्री. मिलिंद गुरव हांचेर अवसर येवंक सुरवात जाली हे विशीं माहिति फाटीं आयल्याच. पूण ते मदीं कुडतरकान्नीचो अंवसर येवपी श्री. रामचंद्र भगत हांची कूड सोंपली. आज कुडतरकान्नीचो अंवसर कोणाचेरूच येना.

१९८८ वर्सा शेळवण गांवच्या एका फडटे घराण्यांतल्या पुरूशाचेर नव्यानच भार आयलो आनी तो आपूण कुडतरकान्नीचो अंवसर म्हण सांगून लागलो. पूण चंद्रेश्वराचो भार ताका आपली भयण मानून मेळा–मेळ करूक घेवंक तयार ना जालो अशी माहिती मेळटा.

भूतनाथाचो भार पूर्वपरांगत साकून 'जोतकार' घराण्यांत येतालो. पूण श्री. रवींद्र गुरवाची कूड सोंपल्या उपरांत भूतनाथाच्या भाराक येवपाखातीर होरायलो ना. श्री. दत्ता जोतकार हांची कूड त्यावेळार आपल्या घराकडेनच हालतल्याचे सांगतात. चंद्रेश्वराचो अंवसर नवे कुडीर आयल्या उपरांत परंपरेक धरून श्री. दत्ता जोतकाराचे कुडीचेर भूतनाथाचो भार उबो जावपाचो. पूण मदल्या काळांत देवस्थान कमिटी आनी सेवेकरी वर्ग हांचे मदीं उप्राशिल्ल्या वादाक लागून तें घडूंक पावलेंना. १९८९ वर्सा भूतनाथाचो भार चंद्रेश्वराच्या रथाचें काम पळोवपी आमोलें गांवच्या एका मेस्ताचेर आयलो आनी चंद्रेश्वराच्या भारान ताका मानून घेतलो.

मेळा-मेळी उपरांत अंवसर गुधार वतात. पाद्देच्या पुढ्यांतलीं [illegible] देंवचार जाग्यार वचून 'फळ' फोडून 'शीग दाळटात'. ही शीग दाळटकच [illegible] लोकांनी पलतडीन वचपाचें नासता. ताणी पाद्दे गांवांतच ते रातचें वस्तेक [illegible].

पूण ते आदीं, चंद्रेश्वराची पालखी आपट्या [illegible] देंवचाराक 'फळ' फोडटात. हो मान केल्या उपरांत आपट्याच्या झाडाचो [illegible] सकयल बागोवन येतात अशें सांगतात.

ह्या आपट्याचीं पानां तोडून लोक 'भांगर' म्हण घरा [illegible] दवरतात. तशेंच अंवसराकडल्यान घेतिल्लो 'कौल' करून घरांत [illegible] कौल दवरूनच पोन्नो कौल काडटात.

मेळा-मेळ जातकच कुडतरकान्नीचो अंवसर आपल्या देवळांत [illegible] चंद्रेश्वर-भूतनाथाचो अंवसर आनी पालकी गुधार पाद्देच्या काय [illegible] तांकां कौल दिता. ते राती अंवसर पालकी 'दर्शना देवळांत' वस्तेक [illegible] लवा-जगोय तांचे बरोबर रावता. ते राती तांच्या जेवणा-खाणाची [illegible] करपाची आसता. दर्शना देवळांत पावता म्हणसर अंवसर विसर्जन [illegible].

मात कितलीय रात जावूं, इतलो वेळमेरेन अंवसरांबरोबर आपले त्रिशूळ घेवन [illegible] गोंसाय थंयच्यान सरळ आगोणें गांवच्या गुळघुडी कट्यार वता.

कट्यावयल्यान शेटकाराच्या मूळ घरांत वचून तो आपलें त्रिशूळ पुरता, थंय [illegible] आनी शंख फुंकता. उपरांत तांच्या घरांत 'खेत्र' कापता. खेत्र कापतना म्हणटे कोंबो [illegible] एके केळ्ळ शिर्तेर दवरतात. उपरांत ते केळी शिर्तेर गळिल्ल्या कोंब्याच्या रगतान [illegible] शेटकारांक 'तिबो' लायता. मागीर कोंब्याचें काळीज काडून भाजता.

'पांच पोळे' करून तांचो आनी कोंब्याच्या भाजिल्ल्या काळजाचो शेटकारांच्या [illegible] गोंसाय नेवेदय दाखयता. उपरांत तांचे बारीक कुडके करून जमिल्ल्यांक प्रसाद वांट्टा.

हरशीं हो गोंसाय गांवांत कोणागेरच जेवपी न्हय वा रातचो वस्तेक रावपी न्हय. पूण हे रातीं मात तो शेटकारांगेर जेवता आनी रातचे वस्तेक रावता.

कोंब्याच्या उरिल्ल्या भागाची शागोती तेदे राती रांदून सगळ्यांक वाडटात.

चंद्रेश्वर-भूतनाथाचीं तरंगां आनी पालकी दुसऱ्या दिसा परती थळांत वतात. थंय आश्विन पुनवमेरेन तांची सद्दा पुजा जाता. आश्विन पुनवेच्या दुसऱ्या दिसा तीं सोडयतात.

कुडतरकान्नीचो अंवसर मात आश्विन पुनवेदिसा (कोजागिरी पोर्णिमेदीसा) आपल्या देवळांत परत उबो रावता. ह्या वेळार तो लोकांचे प्रश्न-गाराणीं आयकून घेता. जाणीं दसऱ्याक कौल घेतलो ना ते ह्या दिसा कौल घेतात. जमिल्ल्या लोकांक हे राती देवळांत 'फराळ' आसता.

दुसऱ्या दिसा देवतेचें तरंग सोडयतात.

पर्वतावयल्या दसऱ्याविशीं जायत्यो आख्यायिका आयकूंक मेळटात. तांतली एक अशी :

एकदा दसऱ्याची मिरवणूक पाड्‌डेच्या बाजारांत पावता म्हळ्यार दिवटेचें तेल सोंपलें. दिवट्याकारांनी पाड्‌डें बाजारांतल्या पसरकारांकडल्यान तेल मेळोवपाचो यत्न केलो पूण ताणीं त्या वेळार पसरे उगडपाक न्हयकार दिलो. चंद्रेश्वराच्या भाराक जेन्ना ही गजाल समजली तेन्ना ताणें न्हंयेचें उदक हाडून दिवटेर घालपाचो दिवट्याकाराक आदेश दिलो. अंवसरान सांगिल्ल्या प्रमाण दिवट्याकारांनी केलें, तेन्ना दिवटी भगभगीत पेटूंक लागली. ही गजाल कळटकच पसरकारांनी वचून देवाकडेन चूक मागली.



आनी ही एक सतकथा :

पोर्तुगेज सरकारान आपले इगर्जेमुखावयल्यान (पाड्‌डेची इगर्ज) हिंदूच्या देवांची मिरवणूक वचूंक जायना म्हण दसऱ्याचेर बंदी घाली. त्याच वेळार पोर्तुगालांत राजा आनी ताच्या पुताचो वांगडाच खून जालो. तेन्ना थंयच्या राज्यघराण्यांक दिसलें की पाड्‌डेच्या दसऱ्याचेर बंदी घाल्ल्यान हें घडलें म्हण. मागीर पोर्तुगालच्या सरकारान रोखडोच आदेस काडून ती बंदी उठयली.



नमी दिसा रातचो आमोणें गांवच्या 'गांवकाराचेर' शेळडें गांवच्या सांतेरीच्या देवळांत 'वाटू–भोंवाड्याचो' भार येता.

ह्या विशीं एक आख्यायिका सांगतात ती अशी :

शेळडें गांवांत एक गांवकार घराणें आशिल्लें आनी त्या घराण्यांत वाटू आनी भोंवाडो नांवाचे दोग भाव आशिल्ले. ह्या भावांचो गांवचेर खूब शेक चलतालो. शेळडेच्या गांव्‌स देसायांक तांचें हें वर्चस्व नाका जालें. ताणीं तांकां मारपाखातीर तकली लडयली. 'कासाक या' म्हण ताणीं दोगांय भावांक रानांत व्हेले आनी थंय तांकां जिवानिशी मारले. ह्या भावांबरोबर तांचो एक सुणो आशिल्लो. आपल्या धनयांक मारले तें पळोवन तो सुणो धांवत तांच्या घराकडेन आयलो आनी व्हड–व्हडान 'भोव' घालूंक लागलो.

वाटू–भोंवाड्याची आवय दारांत भात कांडटाली. सुणो रडटा तें पळोवन तिणें ताका कितको धांवडावपाचो यत्न केलो पूण तो कसोच रडपाचो थांबना जालो आनी थंयचो वचनाय जालो. तें पळोवन तिका कितेंय पूण इपरीत घडलां म्हणपाचो दुबाव आयलो. ती उठली आनी सुणो वता तशी ते वाटेन रांनांत गेली. जाल्यार तिका आपल्या दोनूय पुतांच्यो मेल्ल्यो कुडी मेळ्यो. त्या वेळार तिणें रागान सुण्यांक म्हळें, "म्हाज्या पुतांक तुज्यान राकोंक जालेना, आता कट्टीभर उदकांत नाक बुडोवन जीव दी !" थंयच एक कट्टी आशिल्ली. सुणो धावत थंय गेलो आनी ते कट्टेंतल्या उदकांत नाक बुडोवन मेलो. वाटू–भोंवड्याची आवयय मागीर कांय तेपान मेली.

ह्या उपरांत गांवचेर खूब संकश्टां आयलीं. एका फाटोफाट एक एक नखलाम्यो घडूंक

लागल्यो. तेन्ना गांवच्यांनी देवाक प्रसाद लायलो आल्यार वाटू–भोंवाडो निदरून उठून बसलो. तांकां थंड करपाखातीर तांणीं मागीर वाटू–भोंवाड्याची समाधी बांदली. पुण्याची म्हणून 'सुण्याकाकाची' य समाधी बांदली.

वाटू–भोंवाड्याक मारल्या उपरांत शेळदेच्या गांवकार घराण्याचो निर्वंश जालो देखून तांच्या भाच्याकडेन म्हणजे आमोणेच्या गांवकाराकडेन गांवकारपणाचे अधिकार शेळदेकारांनी दिल्यात. तांच्या भाच्याच्या कुडीवेरच ते दरवर्सा नर्मी दिसा वाटू–भोंवाड्याक कोंबो मारतात. हया शिवाय कांय परावीक तिथींक आनी उगाश्यांक ते एकवीस वातीनी दिवो आनी नारळ फोडून वाटू–भोंवाड्याक मान करूंक लागले. हो मानय तांच्या भाच्याच्या हातानच दिवंक लागता.

दत्तजयंती : (मार्गशीर्ष शुध्द पौर्णिमा)

गुळघुडी कटयावयल्या दत्तमंदिरांत दत्तजयंतीचो उत्सव मोठ्या थाटान जाता. सांजवेळच्या चार वरांचेर दत्तात्रयाची उत्सव मूर्त पाळण्यांत घालतात. हया वेळार जमिल्ले लोक दत्ताचे मुर्तेचेर 'फुलां – गुलाल' बी उधळटात. सुंटीच्या पिठ्याचो जमिल्ल्यांक प्रसाद वांटटात. भजन, किर्तन, गायन, आरत्यो, पालकी अश्यो कार्यावळी ह्या दिसा देवळांत जातात.

हो उत्सव हालींच्या वीस वर्सांत म्हळयार दत्तमंदिर कटयार बांदल्या उपरांत सुरू जाला.

धालांचो उत्सव :

पौष म्हयन्याच्या चड करून पयल्या आयताराक धालांचो उत्सव गांवांत सुरू जाता. हो उत्सव पांच, सात, णव असो गांवच्यांक जाय तितले दीस मेरेन आसता.
(पळयात – धालोनाच)

शिवरात्र : (माघ वद्य चतुर्दशी)

चंद्रनाथ पर्वतावयल्या चंद्रेश्वराच्या देवळांत शिवरात्रेचो मोठो उत्सव जाता. फांतोडेर नाकून चंद्रेश्वराच्या लिंगार अभिशेक करपाखातीर लोक गर्दी करतात. दिसभर देवळांत भजन–किर्तनाच्यो कार्यावळी जातात. रातचो रथ वोडटात. शिवरात्रेचो रथ तरेकवार घुडयो लावन सजयतात. रथ वोडून जातकच म्हाजन त्यो घुड्यो काडून चंद्रवाडीच्या बावीसय गांवच्या मुखेल्यांकडेन दिता. ते मागीर आप–आपल्या गांवांत त्यो वांट्टात. ही घुडी लोक आपल्या घराच्या मुखेल दरवट्यार लायतात.

रथाची मुखेल घुडी दुसऱ्या दिसा आमोणें गांवच्या काटोवाड्यावयल्या देवळांत व्हरून पुजेक लायतात.

व्हडलो शिगमो : (फाल्गून वद्य द्वादशी ते चैत्र शुध्द प्रतिपदा)

पांच दीस मेरेन मुळघुडी कट्यावयल्या देवळांत उत्सव जाता.

पयल्या दिसा शेटकार पर्वतावयल्यान वाजत गाजत उत्सवाचें 'हळदुणें' घेवन कट्यार येता. त्या दिसा थंय सुवारी जाता आनी चंद्रेश्वर-भूतनाथाचे अंवसर येतात. त्रयोदस आनी चतुर्दस ह्या दोनींय दीसा देवळांत उत्सव चलता.

उमाशे दिसा सकाळीं परत चंद्रेश्वर-भूतनाथाचे अंवसर येतात. ह्या दिसा अंवसर आयले म्हण्टकच थेट शेटकारांच्या मठाकडेन वचपाक धांवतात. (वतना वाटेर शेटकारांच्या मूळ मठाच्या जाग्यार नाल्ल फोडटात.)

मड्डेर वतकच भूतनाथाचो अंवसर 'चक्राच्या खेत्र्याक' नाल्ल फोडटा.

शेटकारांच्या मठांत वतकच अंवसर पयलीं शेटकारांक कौल दिता. मागीर हेरांक कौल मेळटा. ह्या दिसा 'धुळवट' जाता.

ह्या वेळार पर्वतावयल्या 'चेड्याचेर' म्हणजे पेडणेकार घराण्यांतल्या एका पुरसाचेर (दादल्याचेर) 'आंब्यावयलो भार' येता.

व्रतां

वडापुनव : (ज्येष्ट पौणिमा)

आमोणें गांवांत पयलीं फकत भटां-बामणांच्योच सवायशिणीं हें व्रत करताल्यो. आज हेर जातीमदींय हे व्रत पावलां. मात गावडी जमातीच्या घरांनी आजून प्रवेश जाल्लो ना.

ह्या व्रताक 'वट सावित्री' अशेंय म्हण्टात.

ह्या दिसा व्रत करपी सवायशिणीन कडक उपास करपाचो आसता.

सकाळी फुडेंच वडाचो एक ताळो हाडून तो पुजेक लायतात. देवा-दिकांचीं चित्रां आनी रांगोळी काडून तो जागो सुशोभीत करतात. ह्या व्रताचो पुराणांतल्या 'सत्यवान - सावित्री' कडेन संबंद आसा अशें मानून, तांच्या स्तुतीचीं गीतां गायतात, कथा सांगतात-वाचतात.

सांजवेळा सवायशिणींक आपोवन हळद-कुंकूम दितात. वडाच्या पानांचे 'दोणे' करून तांतूत पंचफळांचो प्रसाद घालून ते वांट्टात. हरव्या चण्यांनी सवायशिणींची व्होटी भरतात. तांकां 'वायण' दितात. नवे व्हंकलेन ह्या वायणांक 'भांगराचे मणी' बांदपाची चाल आसा.

आषाढी एकादस : (आषाढ शुध्द एकादशी)

ह्या दिसा विठोबा देवाच्या नांवान व्रत करतात. कांय जाण निकट्या फलाहाराचेर रावन हें

व्रत करतात जाल्यार कांय जाण एक वेळचो 'फराळ' घेवन रावतात. ह्या दिसा [illegible] 'चण्यांची उसळी' आनी मुगां दाळ घालून 'कणण' नांवाचें गोडशें खाण करतात.

हें व्रत जरी सर्वसाधारणपणान जाणटेलेच करतात आसले तरी नवे व्हंकलेक [illegible] करपाक सांगतात.

गांवांत गावडी जमातीगेर ह्या व्रताक व्हडलेशें म्हत्व दिल्लें दिसना.

मंगळागौरी : (श्रावणी मंगळार)

गांवांत फकत भटांच्योच सवाशिणी हें व्रत करतात. श्रावण म्हयन्यांत जितले मंगळार येतात तितल्याय मंगळारांक कडक उपास करून 'मंगळागौरी' पुजेक लायतात.

मंगळागौरीचें व्रत लग्न जाल्या उपरांत पयलीं पांच वर्सांच करचें आसता. ह्या व्रतांत 'सोळा' ह्या आकड्याक खूब म्हत्व आसा. सोळा तरेची पत्री, सोळा तरेचीं फुलां, सोळा पक्वान्नां, सोळा वाती, सोळा कुमारीका बी.

मंगळागौरीच्या व्रताचो उद्देश संतती प्राप्ती (पूत) आसता. आपल्यागेर जल्माक येवपी पुताक कसलेच व्यंग आसचें न्हय, तो सोळा कलांनी पारंगत आसचो ही मागणी ह्या व्रता फाटल्यान आसता.

मंगळागौरी दिसा सोळा कुमारीकांक आपोवन तांचो भोवमान करतात. सवाशिणींक हळद–कुकूम दितात. मंगळागौरीची स्तुती करून गीतां गायतात, तेन्नावार फुगड्यो घालतात.

मंगळागौरीचें व्रत करपी बायलेन ते दिसा दनपारां एकदांच जेवपाचें आसता. तें जेवण अळणी आसूंक जाय आनी तिणें जेवतना मौन पाळूंक जाय.

श्रावणी आयतार :

श्रावण म्हयन्यांत जितले आयतार येतात, तितल्याय आयतारांक सवाशिणी बायलो व्रत करतात. नवे व्हंकलेक तर ह्या व्रताचो चड बोवाळ. सर्वसाधारणपणान आयतार 'चार' येतात. नवें व्हंकलेन हांतले 'दोन' आयतार आवयगेर, जाल्यार 'दोन' आयतार घोवागेर पुजेक लावपाचे आसतात. पांच आयतार येत जाल्यार तिणें एक दुसऱ्या कोणागेरय वचून पुजेक लावचो पडटा.

आयताराचें व्रत बायलो आपल्या घोवाक दिर्घायुष्य मेळचें म्हण करतात. दनपारचें एक जेवण जेवन हें व्रत करतात.

सकाळ फुडेंच न्हावन–धुवन अनवाळे जावन आयतार पुजेक लावपाचो आसता. आयताराची पुजा अशी करततात : चुट्टेचें एक 'वक्ल' करून पाटार एके केळी शिर्तेर दवरतात, कांय जाणांगेर ह्या वक्लाच्या बदला पणसाच्या खोलयांचे दोन 'दोणे' करून पाटार उमथे दवरतात. हाका

'न्हवरो–व्हंकल' म्हण्टात. सुर्य–चंद्राची ती सांकेतीक प्रतिमा अशेंय मानतात.

वक्लाच्या एका दोळ्यांत 'हळदीकूंट' दवरतात, जाल्यार दुसऱ्या दोळ्यांत 'विडो' दवरतात. तेत्तीस दुर्वांची एक चूडी आनी बत्तीस दुर्वांची एक चुडी अश्यो दोन चुडयो करून दोनींय दोळ्यांनी एकेक दवरून त्यो पूजेक लायतात. तेत्तीसांचे चुडयेंत 'कावळ्याचो फोव' बांदतात. ह्यो चुडयो 'तेऱ्याच्या वायान' बांदपाच्यो आसतात. बत्तीसांची चुडी सुपारेकडेन जाल्यार तेत्तिसांची हळदीकुंटाकडेन दवरतात.

पत्री, फुलां, गंध, कुकूम, दुर्वा, कापूर, उजवात, धूप अशी सामुग्री आयताराचे पुजेक लागता. 'दादलीपत्री' हळदीकुंटाच्या जाग्यार जाल्यार 'बायलपत्री' सुपारेच्या जाग्यार दवरतात.

आयताराची पुजा करून घरांतल्या देवांची आनी तुळशीची पुजा करतात. सुर्याची पुजा करून, ताका बारा दुर्वांची एक चुडी ओंपतात. आयताराक अन्नाचो नेवेदय दाखयतात. कावळ्याक आनी गायेक पान दिवपाचें आसता.

आयताराचे पुजेक लागपी दुर्वांच्यो चुडयो अश्यो : पांचांच्यो पांच, सातांची एक, बारांची एक, एकवीसांची एक, एकतीस आनी बत्तीसांची एक एक.

पत्री अशी : (मड्डेर जावपी) रामाबोटां, शितेबोटां, शितेचंवर, रामापाट, रामाचामळ, शितेचामळ, दाय, दोवलो, माड, गवळण, दिवली, म्हातारे शेंदरी, बोंदरी, मांदरी, घोड्यापावलां, हुंदराकान ..... आनी हेर.

हे पत्रेशिवाय दारांतल्या फुलझाडांची पानां पत्रेखातीर घेतात. आयताराचे पत्रेक पारदकाचीं फुलां आनी पानां मुद्दाम फैदासून हाडटात.

आयताराचे पत्रेंत धवीं 'शेरवडां' जायच, नाजाल्यार पत्री पुराय जायना. पयल्या आयताराक शेरवडां थोडीं घालतात. उपरांत दर आयतारांक तांचो आकडो वाडयतात. निमाण्या आयताराक शेरवडां खूब घेतात तशीच फुलांय धवींच घेतात. पयल्या आयताराक, आयतार 'बाळक' आसता, दुसऱ्या आयतारा तो 'किशोरावस्तेंत' पावता, तिसऱ्या 'तरणो' जाता आनी चवथ्या आयताराक तो 'म्हातारो' जाता असो समज आसा. तशेंच पयल्या आयताराक ताका वेळान पावयतात जाल्यार निमाण्या आयताराक ताका बेगीन पावयतात.

केन्ना केन्ना बायलो आयताराक फकाणांनी 'घोव पुजेक लायला' अशें म्हण्टात.

चारीय आयतारांक वेग–वेगळें गोडशें करपाचें आसता. पयल्या आयतारांक 'मुटलीं', दुसऱ्या आयतारांक 'पातोळ्यो', तिसऱ्या आयतारांक 'खिचडी' आनी चवथ्या 'पोळे'. नेवेद्याविशीं एक समज आसा. पयल्या आयताराक 'मुटलीं' करप, म्हणजे ताका मुटलावप, मुठींत घेवप अशें मानतात. दुसऱ्या आयताराक 'पातोळ्यो' म्हणजे ताका पातळावप. तिसऱ्याक 'खिचडी' म्हणजे, ताका 'खिंचखिंचावप', चौथ्याक 'पोळे' करप म्हणजे ताका 'पळोवप'. एकाद्रया वेळा पांचवो आयतार आयल्यार ताका 'धंय–शिताचो' नेवेदय दाखयतात. तो आयतार म्हणजे 'गवळी' असो समज आसा.

सकाळीं पुजेक लायिल्लो आयतार सांजवेळा उत्तरपुजा करून वाजयत तुळशींत पावयतात.

दुसऱ्या दिसा मागीर तो घरार वचतात.

आमोणें गांवांत गावडी जमातीतेर ह्या व्रताचें म्हत्व ना. हालींच कांय कुटुंबांनी व्रताची पुजपाक सुरवात केल्या. त्योवूय ही पयली आनी निमाणी आयतार पुजतात.

सप्ताह : (मार्गशीर्ष वद्य पंचमी ते मार्गशीर्ष वद्य षष्ठी)

हें व्रत आख्ख्या गांवचें. सुरवातेक हे व्रत सात दिसांचें आसतालें, म्हण सप्ताह वा सप्तक अशें म्हण्टात. आज फकत चोवीस वरां पुरतेंच हें व्रत करतात. चोवीस वरांमेरेन गावच्या म्हाळशेच्या मठांत 'दत्त' नांवाचो अखंड जप सुरू करतात.

भजन, पुजन, आरत्यो ही करून सप्ताहाची समाप्ती करतात. ह्या सप्ताहाकडेन गांवच्या प्रत्येक घरांतल्यान एक 'फळ' (नाल्ल) आनी तांदळार हेर वस्ती मठांत मोटोंळेक करून धाडूंक जाय असो नेम आसा. ह्या वस्तींची मागीर 'पावणी' करतात. हे पावणेचे पयशे गांवच्या 'घर जाणांच्या' कोप्रीत वतात. प्रत्येक घरांतल्या पुतान आपल्या लग्नाच्या वेळार हे कोप्रींतले पैशे घेवूंकच जाय अशी चाल आसा.

सप्ताहाचे खंयचेय एके राती 'पार' आसता. कृष्णाची मातयेची मूर्त एके सजयिल्ल्या बैलगाडयेंत बसोवन तिची मिरवणूक काडटात. भजन – गायन – वादनान हे मिरवणूकेक रंग भरता. वाटेर कांय थारावीक जाग्यांनी मिरवणूक थांबता. त्या त्या वाड्यावयले लोक त्या जाग्यार मुर्तेची पुजा करतात. पाराची मूर्त एक वर्सभर जल्म्याच्या मठांत उरता. अंदूर्ची मूर्त कुडल्या वर्सा पावयतात.

गांवांत हो सप्ताह सुरू करपा फाटलें कारण अशें सांगतात :

ऐंशी वर्सां आदी गांवांत व्हडली 'मरी' आयिल्ली. लोक किडे मेल्यावरी फडफडून मरताले. दर घरांतल्या एकट्याक तरी बाधा जाल्लीच. गांवचेर सामको अकांत आयिल्लो. पोर्तुगेज सरकारान तर गांवच्या चारूय शिमांचेर आपले शिपाय राखणेक दवरिल्ले. गांवच्या कोणाकूय गांवचे शिमेभायर सरपाची बंदी आशिल्ली. दुसऱ्या गांवच्या लोकांक आमोणें गांवांत येवंक मेळनाशिल्लें.

ह्या संकश्टाच्या वेळार गांवच्या लोकांक चंद्रेश्वर देवाची याद जाली. गांवचो गांवकार बरोबर हेर दोन वांगड्यांक घेवन लिप–चोरयां रानांतल्यान पर्वतार गेलो. थंय देवाक प्रसाद लावन संकश्ट निवारण करपाची विनंती केली. देवान तांकां गांवात सप्ताह वाचपाक सांगलो. 'दत्त' नांवाच्या जपान गांवावयलें संकश्ट निवारण जालें. तेन्नासावन आज मेरेन गांवात सप्ताह वाचतात.

आमोणेच्या कटोवाड्यार आज कार्तिकी एकादशी दिसा वेगळो सप्ताह जाता.

हळद–कुकूम :

मकर सक्रांत ते रथसप्तममेरेन खयच्याय एका दिसा सवायशीण बायलो हें व्रत करतात.

आपल्याक अखंड आयावपण लाबचें हो ह्या व्रता फाटलो उद्देश आसता.

दिसभर व्रतस्थ रावन सांजवेळा बायलो सवायशिणींक आपोवन 'हळद-कुकूम' दितात. हरव्या चण्यांनी तांची व्होटी भरतात. तिळगूळ वा तिळांचे लाडू वांट्टात आनी 'वायण' दितात. हरशीं जेन्ना वायण म्हण्टात तेन्ना सर्वसाधारणपणान 'नाल्ल' होच अभिप्रेत आसता. मात ह्या दिसा वायण म्हण संवसारपयोगी कसलीय वस्त वांट्टात. पूण तांचोय एक क्रम आसता. देखीकः नवे व्हकलेन पयल्या वर्सा 'चिटक्यो' (पळोवपाक खेळांतले कशे दिसपी मातयेचे ल्हान बुडकुले) वाटपाच्यो आसतात. ह्या चिटक्यांनी 'पांच धान्यां' , विडो घालतात'. अणशीच्या दोऱ्यार पिड्डुको गुंतून तो दोरो चिटकेक बांदतात. पोंदाक आनी वयर नाल्लाचें एकेक वळें दवरून हें वायण दिवपाचें आसता.

दुसऱ्या वर्सा 'नाल्ल' वांट्टात. तिसऱ्या, 'पिंजर'. चवथ्या वर्सा परतून 'नाल्ल' वांट्टात. ह्या उपरांत आपल्याक जाय तें वांटू येता.

नवे व्हंकलेन आपलो पयलो 'हळद-कुकूम' आवयगेर वांटपाचो आसता. पौष म्हयन्यांत नवी व्हकल घोवागेर रावल्यार मावाक वायट जाता असो समज आशिल्ल्यान ती ह्या म्हयन्यांत आपल्या आवयगेर रावपाक आयिल्ली आसता. मात तिका हळद-कुकमाक लागपी सगळें साहित्य घोवा घरच्यान धाडपाचें आसता.

मकरसक्रांती दिसा सवायशीण बायलो भटाक 'सुगड' दान दितात. हें सुगड दान दिल्याशिवाय हळद-कुकूम वाटूंक जायना असो समज आसा. सुगड म्हळ्यार एका बुडकुल्यांत पांच धान्यां घालतात, तांतूत विडो दवरतात, पिड्डूको, पांचवीं कांकणां बी घालून तो बुडकुलो एके सुपलेंत दवरतात आनी ती सुपली भटाक दान दितात. ह्या दिसा तिणें व्रतस्थ रावचें आसता.

आमोण्यांत हें व्रत सुरवातेक भटां-बामणांगेरूच केल्लें दिश्टी पडटालें. आज हेर जातींच्यो नव्यो सुनो हें व्रत करतना दिसतात पूण गावडी जमातीगेर तें आजून पावंक ना. हेर बायलो तांकां हळद-कुकूम घेवपाखातीर आपयतात.

धनुर्मास : (सुर्य धनुराशींत आसता तो मास)

गांवच्या भारद्वाज गोत्री भटांगेर हें धनुर्मासाचे व्रत करतात. आख्खो म्हयनो तांच्या घरांतल्यांनी व्रतस्थ रावपाचें आसता. दर दिसा सुर्योदयाचो वेळ सादून सुर्याची पुजा करतात. तशेंच दर दिसा सुर्याचे प्रतिमेची घरांत पुजा जाता.

ज्या दिसा ह्या व्रताची सांगता आसता त्या दिसा सुर्यदेवाची पुजा केल्या उपरांत तेदे सकाळीं एकवीस ब्राम्हणांक जेवण वाडटात. नवें वस्त्र बी दिवन तांचो भोवमान करतात.

धनुर्मासाच्या सांगतेच्या दिसा हें भट घराणें आख्ख्या गांवाक जेवण घालता.

सांगतेचें जेवण भायरच रांदपाचें आसता.

शिवरात्र : (माघ वद्य चतुर्दशी)

ह्या दिसा शिवाक प्रसन्न करपाखातीर व्रत करतात. कडक उपास करून शिवाच्या पिंडयेर अभिशेक घालतात.



ह्या व्रतांशिवाय 'सत्यनारायण' , 'अनंतव्रत', 'नवचंडी', 'शतचंडी', सहस्रचंडी, 'विनायकी', 'अंगारिका', 'सोमप्रदोष', 'शनीप्रदोष', 'सोळा सुक्रार', 'सोळा सोमार' , अशीं जायतीं व्रतां करतात. तशें पळोवंक गेल्यार आठवड्याच्या मातय वाराक एका एकल्याक दुस्र आशिल्ल्या देवांचें तांच्या तांच्या वाराक व्रत करतात. कांय जाण तर श्रावणाचो आख्खो म्हयनोभर व्रतस्थ रावतात. फकत एकवेळचें जेवण जेवन वा सादें शिवराक जेवण जेवनय व्रत करतात. त्या त्या देवांच्या देवळांनी ह्या दिसा गुजरत भेट दितात.

आमोणें गांवांत 'म्हातन' करपाची चाल आसा. सप्ताहासारकेंच आस्पावल्या गांवचें हें व्रत मुळचे आंगवणीक आज व्रताचें रूप मेळ्ळां. गोंयच्या आनीकय कांय वाठारांनी आनी कर्नाटकांतल्या कारवार जिल्ह्यांतय अशेतरेचीं म्हातनां करपाची चाल आसा.

आमोणें गांवांत वर्साक चार म्हातनां जातात, तीं अशीं :

१) आषाढ पुनवेचें म्हातन – आषाढ पुनवेच्या दुसऱ्या दिसा.
२) नव्यांपंचमीचें म्हातन – नव्यांपंचमीच्या दुसऱ्या दिसा.
३) पौष म्हयन्यांतलें म्हातन – पौष म्हयन्यांतल्या खंयच्याय एका आयताराक (हाका कडलें म्हातन अशेंय म्हण्टात.)
४) शिगम्याचें म्हातन – गड्यांच्या दुसऱ्या दिसा.

म्हातनाविशीं जी आख्यायिका गांवांत सांगतात ताचेवयल्यान म्हातन हें उतर 'म्हा–अन्न' ह्या उतरावयल्यान घडलां आसूंक जाय. आमोणें गांवांत म्हातन करपाविशींची आख्यायिका अशी सांगतात :

एकदा गांवांत व्हडली 'जोरी' आयली. घरांची घरां वसाड जावपाची परिस्थिती तयार जाली. अशावेळार गांवचे लोक खुंटयेक शरण गेले. तिका गाराणें घालून गांवची राखण करपाक तांणी विनयलें. तशें देवतेन संकश्ट निवारण केलें.

उपरांत गांवच्या लोकांनी देवतेची व्हडली पुजा केली, थंय समराधना वाडली. गांवभर लोक देवतेच्या पांयांकडेन 'प्रसाद' (जेवण) रांदून जेवले. मागीर दर वर्सा त्या दिसा ते थंय समराधना करूंक लागले. अशेतरेन म्हातनाची चाल गांवांत पडली. अदीं–मदीं देवतेक जागोवपाखातीर हेर तीन म्हातनांचो जल्म जालो.

म्हातना दिसा सकाळी फुडें गांवकार गांवांत भोंवता. ताचेकडेन लोक तांदूळ–नाल्ल–पयशे बी दितात. ह्या सामुग्रीपासुन जेवण रांदपाचें आसता. जेवण जरी गांवकान्नीनी रांदले तरी कांतून – शिनून दिवपाक हेर बायलो वतात. गांवचे किरीस्तांव भाव लेगीत तांदूळ–नाल्ल दितात आनी

खुंट्यात जेवपाक वतात.

म्हातनाचें जेवण रातचें आसता. रांदून जालें तसो गांवकार व्हडल्यान 'कुलो' घालता. गांवकाराचो कुलो कानार पडलो तशे आडे-कडेन आशिल्ले लोक खुंटयांत जगा जातात. तिसरो कुलो जातकच वाडपाक घेतात. पूण ते पयलीं त्या जेवणाचो देवतेक नेवेदय दाखोवपाचो आसता.

जेवणां जालीं तशें देवतेक गाराणें घालून लोक आप-आपल्या घरा परततात.

ही जाली व्हडल्या म्हातनाची गजाल. हेर तिनूय म्हातनांक फकत 'उपार' रांदतात आनी ताचो देवतेक नेवेदय दाखयतात.

टीप :

प्रकरण : ४ (अ) .

१ – भारतीय संस्कृतिकोश, खंड – ९, पृ. ५१०.

२ – *गौरव ग्रंथ : श्री संस्थान चंद्रेश्वर भूतनाथ, पारोडें, पृ. ४५.*

आ. किरिस्तांव समाज

परबो

नातलां (क्रिस्मस) :

नातलां ही किरिस्तांव समाजाची सगळयांत व्हडली परब. ही परब दर वर्सा २५ डिसेंबर दिसा मनयतात. हे तारकेक 'जेरूसलेम' हांगां जेजू क्रिस्ताचो एका गोठ्यांत जल्म जाल्लो असो समज आशिल्ल्यान कांय लोक ह्या दिसा आपल्या घराकडेन गोठ्याची आकृती तयार करतात. तांतूत गोरवां, बोकड्यो बी तयार करून दवरतात. बाळ जेजूक मांडयेर घेतिल्ली मेरी सायबिणीची मूर्त दवरतात. शिवाय एक 'क्रिस्मस ट्री' तयार करून थंय उबी करतात.

ही परब किरिस्तांव समाजाची सगळयांत व्हडली परब आशिल्ल्यान, आदले कांय दीस खाणां करपाच्या बोवाळांत वतात. हीं खाणां आपल्या इश्ट-सोयऱ्यांक आनी शेजाऱ्या-पाजाऱ्यांक धाडून दिवपाची चाल आसा.

२४ तारकेक रातचें इगर्जेंत 'मीस' आसता. सारक्या बारा वरांचेर जेजूचो (Jesus Christ) जल्मसुवाळो सुरू जाता. ह्या सुवाळ्यांत वांटो घेवन लोक आप-आपल्या घरा परततात म्हणसर फांतोड जाता.

इगर्जेंतल्यान येवन लोक आप-आपल्या घराकडेन फोग लायतात. आकाश दिवो पेटयतात. तांगेर चड करून 'नेकेत्राची' च आकृती करून लायतात.

तरेकवार मनोरंजनाच्यो कार्यावळी आयोजीत करून आयले परबेची हे खोशी [illegible] कांय गांवांनी थळावे क्लब आनी संस्था अशेतरेच्यो कार्यावळी आयोजीत करतात.

'क्रिसमस फादर' भोंवपाची चाल आमोण्यांत ना. मात हांगीच्या नेतर जेजू, [illegible] आनी तीन मागी राया हांचीं सवंगां करून कांय दोंगी तरणाटे गांवान भोंवतात. ताका कांय लोक भावार्तान पांयां पडून भेटवणी ओंपतात.

२५ तारखेच्यान सुरू जाल्ली नातलांची परब ६ जानेवारी मेरेन आसता.

हें विशीं सांगतात :

जेजूचो जल्म जावंचे पयलीं पूर्वकडल्या तीन 'मागी' रायांक [illegible] की सर्वसामान्य तारपी पश्चिमेचे दिशेन खंय तरी अवतरल्या म्हण. देखून ते राया ना ना तरेच्यो भेटवण्यो घेवन पश्चिमेच्या मार्गाक लागले पूण तांकां खंय वचचें तेंच कळना जालें. अशावेळार तांकां मळबार एक असामान्य अशें नकेत्र दिसलें जें मळबांत चलतालें. तेन्ना ते राया ते नकेत्र वता थंय फाटल्यान गेले. अशेतरेन ते जेरूसालेम हांगा पावले, जंय जेजू क्रिस्ताचो जल्म जाल्लो आशिल्लो.

त्या नेकेत्राची याद म्हण नातलां दिसा नेकेत्र पेटयतात. ते नेकेत्र मागी फेस्ता मेरेन म्हणजे ६ जानेवारी मेरेन दवरपाचें आसता.

मागी फेस्तापयलीं म्हणजे १ जानेवारीक नवे वर्स सुरू जाता देखून त्या दिसा परब मनयतात. ह्या दिसा इगर्जेंत मीस आसता, घरांत गोड–गोडशे रांदतात.

इंत्रूज (कार्निव्हाल, कार्नाव्हाल) :

इंत्रूज (Intrudo) हे परबेचें हिंदूंच्या शिगम्याकडेन खुबशें जुळटा. सोरो पियेवप, मांस खावप, गाळी–पोजडीं उतरां उलोवप, तरेकवार भेस– सवंगां करून भोंवप, रोमट नाचप, धुल्ल वा रंग शेवटून धुळवट खेळप, मेल्ल्यांचो आनी वाऱ्यासुत्रांचो भंय मानप इतकेंच न्हय तर वाजपां वेर्गीत एकमेकांकडेन साम्य दाखयतात. ह्यो दोनय परबो लागीं लागीं येतात. शिगम्यान हिंदूंचो चातुर्मास काळ लागीं येता तर इंत्रूजान किरिस्तांवाचीं 'कॉरेज्मां' सुरू जातात.

इंत्रूजाचे तिनूय दीस गांवचे गडे 'मांडार' जमतात. घोल, ताशे, घुमटां, कांसाळीं वाजोवन तांच्या सुरांचेर तरेकवार मांडे, कातारां आनी फालां गायतात. वाटेवयल्यान येवपी–वचप्यांक 'होरगयो' घालून तांचेकडल्यान पयशे घेतात. इंत्रूजाचो निमाणो दीस तर चड मजेचो. एकमेकांचेर रंग मारपाची सवलत ह्या दिसाच आसता. मात तो रंग निळो वा काळोच वापरतात. उदकाच्या वा काजुच्या रोसान भरिल्ले बोमाडे शेंवटुवपाची चाल हालीच तरनाट्यांनी सुरू केल्या. ह्या दिसा रातचो मेळ 'घरां खेळूंक' भायर सरता. हिंदूचींय घरां खेळपाची चाल आमोण्यांत आसा. मेळाक सोरो आनी खावपाक वांट्टात. पयशेय दितात. मेळ निमाणो मांडार वचून विसर्जन पावता.

इंत्रूज सोंपता ताच्या दुसऱ्या दिसा जो बुदवार येता ताका 'शेंजये बुदवार' वा 'मेल्ल्यांचो बुदवार' म्हण्टात. इंग्लीश भाशेंत 'Ash wednesday' म्हण्टात. ह्या दिसाच्यान 'कॉरेज्मांक'

सुरवात जाता. ह्या दिसा इगर्जेंत मीस सांगल्या उपरांत पादिगार सगळ्यांच्या कपलाक 'गोबरान खुरीस' करता आनी ते वरवीं मातयेंतल्यान जल्मांक आयिल्लो मनीस निमाणो मातयेंतच वतलो हाची शिटकावणी करून दिता.

इंत्रूज फेब्रुवारी–मार्च म्हयन्यांत येता, आयतारान सुरू जावन मंगळाराक सोंपता.

पास्कां (ईस्टर) :

पास्कां फेस्ता पयलीं जो आयतार येता तो 'रामा आयतार' (Palm Sunday). ह्या दिसा इगर्जेंत मीस जाल्या उपरांत हातांत माडाचें 'कवळ' घेवन जेजूचे मुर्तेचें पुरसांव काडटात. इगर्जेंतल्यान घरा येतना दर एकटो माडाची कंवळी चुडटी बरोबर घेवन येता.

अशें सांगतात, ह्या दिसा जेजू क्रिस्तान जेरूसलेम शारांत प्रवेश केल्लो आनी ताच्या शिष्यांनी हातांत 'खाजराच्यो चुडट्यो' नाचयत ताका येवकार दिल्लो. त्या दिसाची याद म्हण ही परब मनयतात. गोंयांत खाजराच्यो चुडट्यो मेळनात म्हण माडाच्यो चुडट्यो वापरतात. येवरोपांत ज्या जाग्यार माड वा खाजराचीं झाडां नात त्या जाग्यार हेर झाडांच्यो खांदयो घेतात.

'रामा आयतार' ह्या उतरामदलें 'राम' हें उतर पोर्तुगेज 'रामु' ह्या उतरावयल्यान आयलां. 'रामु' (Ramo) म्हळ्यार झाडाचो खांदो. ह्या उतराचो हिंदू पुराणांतल्या 'राम' उतराकडेन कायच संबंद ना.

रामा आयतारा दिसा सांजवेळां केपेचे इगर्जेंत 'पास' जाता. ह्या वेळार खांदार खुरीस घेतिल्ले जेजूचे मुर्तेक घेवन पुरसांव काडटात. आमोणेचे लोकय मोठ्या भावार्तान ह्या पुरसावांत सहभागी जातात.

रामा आयतारा उपरांत जो बिरेस्तार येता तो 'निमाणो बिरेस्तार'. ह्या दिसा जेजून आपल्या शिष्यांबरोबर निमाणें जेवण घेतिल्याचें सांगतात. ह्या दिसा इगर्जेंत मीस जाता. ह्या मिसाच्या वेळार धवेच कपडे घालपाची चाल आसा. ह्या दिसा मिसा उपरांत इगर्जेंतल्यो घांटी वाजोवन ज्यो थांबयतात त्यो बद्द पास्कां–फेस्ता दिसा परत्यो वाजोवपाच्यो आसतात. मदले तीन दीस अती दुखाचे म्हण मानतात.

निमाण्या बिरेस्ताराच्या दुसऱ्या दिसा येवपी सुक्रार हो 'निमाणो सुक्रार' (Good Friday).आमोणेचेच न्हय तर संवसारांतले सगळे किरिस्तांव हो दीस अती दुखाचो म्हण मानतात. ह्या दिसा जेजू क्रिस्ताक 'खुरसार' वा 'सुळार' मारिल्ल्याचें सांगतात. ह्या दिसा सदांच जेजूचे मुर्तेर आसपी तांबडें–जांबळें वस्त्र काडून दवरतात.

उपरांतचो दीस म्हणजे शेनवार. होवूय दीस दुखाचो मानतात. शेनवारा उपरांतचो दुसरो दीस म्हणजे आयतार, हो दीस 'पास्कां फेस्ताचो'. निमाण्या सुक्रारा दिसा सुळार मारिल्लो जेजू ह्या दिसा जिवो जावन सर्गार गेलो अशें मानून ह्या दिसा परब मनयतात. हो दीस मोठे खोशयेचो. चाळीस दीस मेरेन चलपी कॉरेज्मां ह्या दिसान सोंपतात.

आदले राती बारा वरांचेर जेजू जिवो जाल्लो अशें मानतात आनी त्या वेळार इगर्जेंत मीस करतात. मिसा पयलीं इगर्जे भायल्यान 'पास्कां वात' पेटोवन घेवन इगर्जेंत भितर येतात. हे वातीन मागीर इगर्जेंत हाजीर आशिल्ल्या पाद्रींच्या आनी हेर लोकांच्या हातांतल्यो वाती पेटयतात. उपरांत पास्कांची वात एके सजयल्ले बसकेर करून दवरतात. ही वात म्हणजे जेजू जिवो जाल्याचें प्रतीक मानतात. ह्या दिसा इगर्जेंत खोशी परगटांवपी गीतां गायतात. तीन दिसांसावन बंद आशिल्ल्यो घांटी ह्या वेळार वाजयतात. उपरांत पुरसांव भायर काडटात. पास्कांचें मीस जावन लोक घरा परतता म्हणसर दीस उजवाडिल्लो आसता. घरांत गोड-गोडशें आनी मास रांदून लोक ही परब मनयतात.

ह्या फेस्ताचें 'पास्कां' हें कोंकणी उतर Pascoa ह्या पोर्तुगीज उतरांतल्यान आयलां. पास्कां दिसा जिवो जाल्लो जेजू त्या दिसाच्यान चाळीसाव्या दिसा सर्गार गेल्लो अशें मानून त्या दिसा इगर्जेंत खास मीस आयोजीत केल्लें आसता.

सोज्यांव (संज्यांव) :

दर वर्सा २४ जुनाक पावसाचे उटंगार बरोबर घेवन ही परब येता. हें फेस्त खरें 'सां जुवांवाचें' (st. John). पूण गांवांत त्या उतराचे अपभ्रंश जावन 'सोज्यांव' अशें उतर जालां. ह्या दिसा गांवचे दादले-भुरगे आप-आपले पगंड करतात आनी लोकांच्या दारांनी सोज्यांव घालूंक (खेळूंक वा नाचूंक) वतात.

खेळगडे आंगार फकत काश्टी वा मोडवें कालसांव दवरतात. माथ्याक सोज्यांवाचें 'कपेल' बांदतात. हातांत एक पिडो (पिराडो) घेतात आनी दारा दारांनी वचून आंगणांतल्या चिखलांत-रेब्यांत तो आपटीत गीतां गायतात. एकादया वर्सा सोज्यांवाक पावस पडलोना जाल्यार नाचपाक मजाच येना. हा दिसा उंटगाराचो पावस पडचो अशी सगळ्यांचीच अपेक्षा आसता.

सोज्यांव हिंदूंच्याय दारांनीय वता. सोज्यावाचीं खाशेलीं गीतां आसतात.

सोज्यांव धुंवता तेसो धुंवोता,
आरे सोज्यांव पातोळ्यो मागोता !
व्हिव्हा सोज्यांव !

अशेतरेचीं जायतीं गीतां गायतात. ह्या दिसा दर घरांत खावपाक पातोळ्यो करतात.

आल्मांफेस्त :

दर वर्सा २ नोव्हेंबराक हें फेस्त येता. १ तारखेक मध्यानराती 'आल्मां' (मेल्ल्या मनशांचे आत्मे) गांवांत भोंवतात आनी कोणायल्योय कितेंय वस्ती भायर आसत जाल्यार त्यो व्हरून मेळ्ळत

थंय वडयतात, कोणायल्याय पोरसांतलीं फळां, नाल्ल– आडसरां बी काडून खातात, झाडां हुमटान वडयतात असो समज आसा. खरें म्हळ्यार ह्यो सगळ्यो गजाली आल्मांच्या नांवांखाला गांवचे 'आलम पेड्ड्यार' तरणाटेच करतात.

दुसरो दीस फेस्ताचो. ह्या दिसा लोक इगर्जेत वचून देवाची प्रार्थना करतात, मीस आयकतात. मेल्ल्याच्या आत्म्याक शांती मागतात.

ह्या दिसा घरांत गोड–गोडशें करतात आनी मांस रांददतात.

उत्सव

कपेलाचें फेस्त :

गांवच्या कपेलाचें फेस्त दर वर्सा ४ मेक येता. हें फेस्त 'सांता खुरसाचें'. गोंयच्या हेर इगर्जेनी वा कपेलांनी जशें हें फेस्त ३ मेक जाता तशें तें आमोण्यांतय जावपाचें. पूण त्या दिसा सगळ्या व्हडल्या इगर्जेनीं तें जाता देखून आमोण्यांत तें दुसऱ्या दिसा मनयतात.

वर्साक एका घराचेर हें फेस्त करपाची जबाबदारी सोंपयिल्ली आसता. जर एकाद्रयाक आपली पाळी येवंचे पयलीं फेस्त करपाची इत्सा आसत तर ताणें धा जाणांकडल्यान मागून घेवंचे पडटा.

फेस्ताच्या आठ दीस आदीं 'माडी' लागता. म्हळ्यार त्या दिसा माटवाक म्हेड घालतात. माडी लागली तशी सद्दां रातची 'लादीन' (Ladainha) जाता.

फेस्ता दिसा सकाळीं णव वरांच्या अदमासाक कपेलाचे मानकरी 'मुजग' (Music) घेवन वतात आनी 'प्रिजदेंतीक' (Presidente वा फेस्तकार) कपेलाकडेन घेवन येतात. थंय मागीर फेस्ताचे सगळे सोपस्कार जातात. पाद्री 'मीस' सांगता, 'शेरमांव' जाता, देवाची प्रार्थना जाता, पुरसांव जाता. उपरांत हें सगळें सोपोवन सगळेजाण प्रिजदेंतीच्या घराकडेन वतात, थंय ताणें गांवच्या लोकांखातीर खास जेवणाचो कार्यक्रम दवरिल्लो आसता.

हें फेस्त आमोणें गांवापुरतेंच मर्यादीत आशिल्ल्यान फेरी बी साप ल्हान भरता.

व्रतां

कॉरेज्मां :

कॉरेज्मां (Lent) म्हळ्यार व्रतस्थ रावपाचे दीस. पश्चिमेकडले इगर्जेनी हीं कॉरेज्मां 'मेल्ल्याच्या बुदवारान' सुरू जातात आनी पास्कां फेस्तान सोंपतात. पूर्वेकडल्या इगर्जेनी कॉरेज्मा पास्कां फेस्ता पयलीं आठ सप्तकां आसतात.[१]

कॉरेज्माच्या दिसांनी फकत एकवेळचें जेवण जेवन आनी दिसभर देवाचें नामस्मरण करून

व्रत करतात. ह्या दिसांनी घरांत मांस वा गोड-गोडशें रांदनात. कांय लोक तर हे चाळीस दीस एक जेवन रावतात.

ह्या शिवाय दर सुक्रारा साळे जेवण जेवन लोक व्रत करतात. कांय लोक सुक्रारा एकदां जेवनात.

अडल्या-नडल्या वेळार आंगवण करून वा बाल्तीस... कांय तरी सारक्या गुणाक पावल्या उपरांत धन्यवाद व्यक्त करूंक किरिस्तांव लोक 'लादीन' करतात. ही लादीन गावच्या कपेलांत एकाद्र्या खुरसाक देन वा आपल्या घरांत करतात.

गांवांत दर घरांत वर्साक एकदां 'सायबीण हाडपाची' चाल आसा. कपेलंत दुस्सैंकी सायबिणीची मूर्त दर वर्सा पाम्कां फेस्त जाल्या उपरांत दुस्सैंच्या अधिकाऱ्यांच्या घरांनी भोंवडावन व्हरतात. आगोणें गांवांत सायबीण मे म्हयन्यांत, म्हळ्यार पावसा आदीं दिसता. दर घरांत ती एक रात वस्तीक रावता. आंगवण करून तिका घड दिसाय दवरतात. आस-पासचे शेजारकडले लोक तिची पुजा- प्रार्थना करतात, लादीन करतात. सायबीणीक आयिल्याक उजो दिल्ले वात, मिन्सुरां आनी सोरो वांट्टात.

सगळीं घरां भोंवन जातकच सायबिणीक हाडिल्ली तशी पुरसांवान दुस्सैंक व्हरून दवरतात.

ह्या शिवाय सांत आंतोनीचें व्रतय लोक करतात.
त्या विशीं सविस्तर माहिती अशी :

पावस जर वेळार पडलोना तर सांत आंतोनीचे व्रत करतात. व्रत म्हणचे रगळ उत्सवाचेंच रुप चड आसता.

'सांत आंतोन' देवाक एके दालयेंत दवरतात आनी ती दाल्ली माथ्यार घेवन एकटी चलता. फाटोफाट गांवचे लोक 'ओरेसांव' म्हणत गांवच्या सगळ्या रस्त्यांनी भोंवतात. गांवभर भोंवल्या उपरांत कपेलांत येवन मीस करतात. मागीर पावस पडटा असो समज आसा.

सांत आंतोनीक आळोवपाखातीर गावपाचें एक खाशेलें गीत (ओरेसांव) आसा.

सांत आंतोन
पावस घाल ! पावस घाल !

सांत आंतोन
आंजे ! आंजे !
पावस घाल
सांजे ! सांजे !

सांत आंतोन
वीर गो ! वीर गो !

विस्कोलाचो
भुरगो ! भुरगो !

सांत आंतोन
देरां उबो ! देरां उबो !
आमच्या पास्कां
येयला उजो ! येयलो उजो !

दोंगरा वयले
काळंगिणीं ! काळगिणीं !
पावस घाल गे
सायबिणी ! सायबिणी !''

टीप :

प्रकरण : ४ (आ)

१– *Encyclopaedia Britannica*

५

संस्कार आनी परंपरा

आगोणें गांवांत वेग-वेगळया जाती धर्मांचे लोक रावतात [illegible], [illegible] गदीं वेगळेंपण जाणवता, त्याचबरोबर एकेतरेचें साम्यय तांचेमदीं [illegible]. [illegible] परिणाम हया संस्कारांचेरूय जाला पूण पूर्विल्ले परंपरेचो मूळ गाभो आतूय तिगून उरला.

अ. हिंदू समाज

हिंदू धर्मांतल्या संस्कारांची थोडेभितर जाणविकाय अशी :

सटी :

पयलें बाळंतपण आवयगेर करपाची चाल आसा. भुरग्याच्या जल्माची खबर [illegible] घरा, आवयघरच्यांनी 'नाल्ल–गोड' धाडून कळोवपाची आसता.

भुरग्याच्या जल्माच्या सव्या दिसा 'सटी' पुजतात. गांवांत लोकांचो असो [illegible], भुरग्याच्या जल्माच्या सव्यादिसा सटी देवता ताका व्हरपाखातीर मध्यान रातीं येता. जे कोण तिची बरेतरेन सेवा करुन तिका प्रसन्न करतात तांकां ती भुरगें परते दिता आनी जे तिचेकडेन [illegible] दिनात तांचें भुरगें ती घेवन वता.

सटी पुजपाची पध्दत प्रत्येक गांवांमदीं आनी प्रत्येक जातीमदीं वेग–वेगळी आसा. [illegible] गांवांतली सर्वसादारण पध्दत अशी :

सव्या दिसा बाळंटिणीचे कुडींतलो थोडो जागो शेणान सारयतात. तिनिकात्रीच्या वेळार घरांतल्या जाण्ट्यान एक 'नाल्ल–पड' व्हरुन त्या जाग्यार पाटार दवरपाची आसता. केळींच्या पानांचो एक दोणो करुन त्या नाल्लार उमथो घालतात. काजळ–कुकूम लावन त्या दोण्याक नाक–दोळे करतात. भांगराचे खरे अळंकार त्या नाल्लाक घालतात. पिटकोळेच्या फुलांची ताका माळ घालतात. त्यावेळार नरवलाच्या झाडाचे ताळे हाडून ते घराच्या फाटल्या–फुडल्यान खोयतात. उपरांत एक विडो आनी कांय पयशे भुरग्या आनी बाळंटिणी भोंवतणी उंवाळून पाटार व्हरुन दवरतात मागीर सटयेची पुजा करुन तिका 'खिचडी' आनी 'वड्यांचो' नेवेदय दाखयतात. गांवचे मडवळ जातीगेर सटयेक नुस्त्याचोय नेवेदय दाखयतात.

बाळंटिणीची व्होट भरुन सगळ्यांत पयलीं तिका जेवपाक वाडटात आनी मागीर हेरांक. सटयेच्या जेवणाक मुजरत लोकांक आपयतात. सटयेक गेल्या सगळ्यांनी दोळ्यांत काजळ घालपाची चाल आसा.

सटये राती, रातभर भुरग्याक मांडयेर घेवन बसूंक जाय, ताका मात पूण सकयल दवरुंक जायना. बाळंटिणीनय ते राती भायर सरुंक जायना. शेजाराक जर कोणायलेंय ल्हान भुरगें आसत तर त्या दिसा ताका पयस घेवन वच्चें लागता. कारण सटी ताकाय बाधा करता असो समज आसा.

सटयेम्हऱ्यांत रातभर 'झांज' वाजोवन जाग्रण करतात. फांतोडेर सटयेपुजेचें सगळें सामान घेवन 'वैजीण' वता. वतना तिणें फाटीं वळून पळोवंक जायना.

गांवांत बन्या जातीच्या एका घरांत सटी पुजपाची चाल ना. ते राती तांगेर भात कांडपाच्या 'वानांत' एक फांतोर दवरतात. अशें सांगतात, ह्या घरांतले एके बायलेगेर जाल्लीं जाल्लीं भुरग्यां सटयेरातीच मरुंक लागलीं म्हण तिणें रागान पुजेक लायिल्ली सटीच शेवटून मारली. तेन्नाच्यान तांगेर सटी पुजनात.

सटी जितली कोपिश्ट तितलीच मायेस्त अशें मानतात. एकाद्रे बायलेगेर भुरगें नासत जाल्यार तिणें सटयेक सांगून घेतल्यार तिगेर रोकडेंच भुरगें जाता असो समज आसा.

सटयेची चाल आज बंद पडूंक लागल्या. आज बाळंतपणां हॉस्पीटलांनी जाता आशिल्ल्यान मुद्दाम सटयेचो बाद टाळपाखातीर बाळ-बाळंटिणीक स दिसां उपरांत घरा हाडटात.

बारसो :

बाळंटिणीचें भश्ट सामकें खर मानतात. इकरा दिसमेरेन बाळ-बाळंटिणीक वैजीण आनी मडवळणी शिवाय कोणेंच आपडूंक जायना. सुयेराचे इकराय दीस परक्याकडल्यान घरांतल्या देवाक दिवो पेटोवन घेवपाचो आसता.

इकरा दिसांकडेन मडवळण बाळ-बाळंटिणीक न्हाणोवन भितर हाडटा. पूर्विल्ल्या काळार तांकां न्हाणोवपाखातीर घराभायर वेगळो आडोस करताले. हें न्हाण जालें म्हण्टकच बाळंटिणीन देवाकूड सोडून घरांत हेरकडेन सगळ्याक भोवूंक जाता. बाळंटिणीक न्हाणोवन भितर घेतना मडवळणीन तिका आपलें कापड न्हेसपाक दिवपाचें आसता.

उपरांत भटाकडल्यान घरांत शुध्दीकरणाचो होम घालून घेतात. घरभर 'पंचगव्य' शिंपडावन, थोडें भुरग्याच्या आवय-बापायकय पिवपाक दितात.

दुसऱ्या दिसा म्हळ्यार बाराव्या दिसा 'बारसो' करपाचो आसता. ह्या दिसा भुरग्याक पाळण्यांत घालपाक म्हूर्त लागना. पूर्विल्ल्या काळार बारश्याच्या पयलीं भुरग्याक पाळण्यांत न्हिदयनाशिल्ले.

बारश्या दिसा सांजवेळा कांय सवायशिणी, बाळंटिणीक घेवन बांयचेर वतात. थंय 'पांच धान्यां' घालूंक लावन बाळंटिणीकडल्यान बांयची पुजा करुन घेतात. उपरांत बाळंटिणीक बांयच्या

उदकाचो तांबयो भरून काडूंक लावन, दुसऱ्याच्या भुरग्याक हाददीर घेवन तो उदक माडाबुडांत ओतूंक लायतात. अशेतरेन आंबो, केळ, काजू, पणस अशा झाडांक उदक घालूंक लायतात. पांच झाडांक उदक घालून जातकच तिणें निमाणो तांबयो भरून घरांत व्हरूंक जाय. घरा लागसार बांय लागीं नासता पंय एका तोपांत उदक घालून ताकाच बांय मानून ह्यो सगळ्यो विधी करतात. ह्या विधीं उपरांत बाळंतिणीन उदकाक आपडूंक जाता. पांच झाडांक उदक घालून ती त्या झाडांकडेन, आपलें भुरगेंय तांच्या सारकें घमघशीत वाडूं म्हण मागता.

बांयचेर साकून घरांत भितर सरतकच बाळंतिणीक नवी साडी नेसूंक दितात. पांचव्या म्हयन्याचेर तिणें हातांत घाल्लीं पांचवीं कांकणां ह्या वेळार बदलून नवीं तांबडीं कांकणां घालपाचीं आसतात.

घोवाल्या घरच्यो आनी आवयल्या घरच्यो सवायशिणी तिची ओटी भरतात. आवयघरसावन ह्या वेळार गडगंज 'बाळंतविडो' धाडपाची चाल आसा.

उपरांत काजळ--तीट लावन नवी 'पचांगी' बी नेसोवन भुरग्याक पाळण्यांत घालपाची तयारी करतात. सजयिल्ल्या पाळण्याचे एकेवाटेन आवयन म्हणजे बाळंतिणीन रावपाचें आसता आनी दुसरेवाटेन रावपी बायल सवायशीण आसून तिची सगळीं भुरगीं जितीं आसूंक जाय. रांडूड बायलेक मदीं बोवाळपाचो अधिकार ना.

भुरग्याक पाळण्यांत घालचे पयलीं 'बाळ' पाळण्यांत घालतात. 'बाळ' म्हण एका नाल्लाक धव्या कपड्यांत गुंटलायतात, ताका काजळ-तीट लायतात, शक्य जाल्यार खुद्द भांगराची सरपळी बी घालतात.

बाळाक पांच फावट पाळण्यापोंदच्यान काडटात, भुरग्याची आवय आनी पाळण्याकडेन आशिल्ली दुसरी बायल एकमेकांच्या हातांत ताका दितात. निमाणे फावट बाळाक पाळण्यांत एके कुशीन दवरतात. हेच तरेन भुरग्याकय पाळण्यांत घालतात.

भुरग्याक पाळण्यांत घालपाच्या वेळार 'पाळणें' म्हणपाची चाल आसा. आमोणें गांवांत आज फकत भटांगेरच पाळणें म्हण्टना दिसतात. तांचेकडेन चालू आशिल्ले हे पाळणे केन्ना केन्ना हेरांच्या घरांनीय म्हण्टना दिसतात. ह्या पाळण्यांची एक देख अशी :

बाळा जो जो रे
कुळभुशणा, दरशरथ नंदना,
बाळा जो जो रे
बाळ जल्मला अयोध्येशी
बाळा जो जो रे
बाळ जल्मला दशरथाचे वंशी
बाळा जो जो रे
बाळ जल्मला ऋशीकेशी

अवतार विष्णुचा
बाळा जो जो रे

येऊनी वतिस्ट (वसिष्ट) बाळाचे वदन पाहतो
बाळ न्हेसला पिवळा पितांबर
गळीमाळा रत्नजडीत
कानी कुंडल माथ्याचा मुकूट
ललाटी चंदनाची उटी
बाळा जो जो रे.

निद्रा करी बा सकया
बाळा जो जो रे.

अशेतरेन भुरग्याक केन्ना अयोध्येच्या रामाची तर केन्ना गोकुळांतल्या कृष्णाची उपमा दीत पाळण्यांत घालतात.

भुरग्याक पाळण्यांत दवरतकच आवय ताच्या तोंडांत साकर घालता आनी ताच्या कानांत, ताचें नांव सांगता.

घरांत कोणय मेल्लो आसत जाल्यार ताचें नांव दवरपाची आजुनय चाल आसा. आज्याचें नांव मुद्दाम नातवाक दवरतात. जाण्टयाचें नांव दवरल्यार वापराखातीर म्हण नवे मोदीचें वेगळें नांव दवरपाची आज चाल आसा. पयलींच्या तेंपार देवा–दिकांचीं आनी पुराणांतलीं नांवां दवरताले. देखीक : कृष्ण, शंकर, पांडुरंग, गोपिका, गोपी, शिता, लक्ष्मी, पार्वती, अनंत, हरी बी. केंसर, वोंवळ, जायू, शेवतें, मोगरें, गुलाबें, आबोलें, चाफें अशेतरेन फुलांचीं वा वाग, शिंव, कोलो, सोसो, काजुलो अशेतरेचीं जीव–जिवारींचीं नांवां दवरताले.

एकाद्रे बायलेगेर जावन जावन भुरग्यां मरतात जाल्यार, जिचीं सगळीं भुरग्यां जिवीं आसात अशे बायलेचे व्होटयेंत, जाल्या बरोबर भुरग्याक घालतात. तशेंच फोंड, फोंडो, फोटू, कोयर, सुकडो, मर्तो, मर्तुल अशेतरेचीं नांवां दवरपाची चाल आशिल्ली. जें नांव दवरता ताच्या परस परतें जाता असो समज आसा. नाका आसतना एकाद्री चली जायत तर तिका 'विठें वा विठाय' नांव दवरतात. चलो नाजाल्यार जाल्ले चलयेक चल्याचें नांव दवरल्यार रोकडोच चलो भुरगो जल्मता आसो समज आसा.

दातोळयो :

भुरग्याक पयलो दांत आयलो तसो हो संस्कार करतात.

भुरग्याक पाटार बसोवन ल्हान ल्हान वडे, गणे, [illegible], [illegible], [illegible] जिनस एकठांय करून ताच्या माथ्यावयल्यान वोंततात. वडे [illegible] [illegible]. माथ्यावयल्यान ओंतिल्ले हे जिनस तार्णे आनी व्हडिल्ल्या [illegible] वेंचून खायतात. हो संस्कार करना जाल्यार भुरगें मेळन ताका घांस काडटा असो समज आसा.

वाडदीस :

भुरग्याच्या जल्माच्या वर्सादिसा हो संस्कार करतात. न्हाणोवन–धुवोवन भुरग्याक सजयल्ल्या पाटार बसयतात. मागीर भुरग्याची आवय ताका आरत [illegible]. ताका [illegible] घांस भरयता. ह्या उश्टावनाखातीर गुद्दाम 'साळच्या तांदळांची पायस' करतात.

आज केक कापून आनी गेणवाती पेटोवन पश्चिमी पद्धतीन वाढदीस करपाची चाल सुरू जाल्या.

जावळ कापप :

चल्या–भुरग्याचे पयले फावट केंस कापतना विधीपूर्वक कापपाचे आसतात. बरो दीस वेळ पळोवन म्हाल्याक घरा आपोवन भुरग्याचे केस कापतात. म्हाल्याक नाल्ल पड, नवें वस्त्र [illegible], आनी पयशे दिवन ताचो भोवमान करतात.

एक वर्स पुराय जांवचे पयलीं भुरग्याच्या केंसाक कातर लावूंक जायना. तशेंच तीन वर्सां पुराय जावंचे पयलीं ताचें जावळ कापूंक जाय, जाल्ल्या दिसा वा जाल्ल्या वाराक केंस कापनात असें मानतात.

कान–नाक तोंपप :

चली जावं चलो ताका एक वर्स पुराय जावंचे पयलीं ताचे कान तोंपपाची रीत आसा. कान तोंपल्यार 'किरवड' वता, ताका वायट बाधा जायना असो समज आसा. आज सर्वसाधारणपणान चलयांचेच कान तोंपतात, कानांक अळंकार घालूंक मेळूंक जाय होच ह्या फाटलो उद्देश दिसता.

एका बऱ्याशा म्हुर्तार चड करुन एकाद्रे परबे दिसा शेटीक वा कान तोंपपाचो हातगुण आशिल्ले बायलेक घरा आपोवन भुरग्याचे कान तोंपतात. जांकां तांकता ते भांगराचे तारयेन तोंपून घेतात, जांकां तांकना ते सादें सूत घालतात. कानाचो घावो बेगीन पेंकचो म्हण तेंफळांचो कांटो झरोवन लायतात.

कान तोपूंक आपयल्ल्याचो नाल्ल–पड दिवन भोवमान करतात.

हेच पध्दतीन आठ-णव वर्सांचे पिरायेचेर चलीभुरग्याचें नाक तोंपतात.

मूज :

गांवठी भाशेंत 'मूज' हें उतर जरी चालंत आसलें तरी धर्मशास्त्रांत ह्या संस्काराक उपनयन, मौजीबंधन, व्रतबंध अशीं नांवां आसात. हया संस्कारान 'मुंजो' (बटू) ब्रह्मचर्याश्रमांत प्रवेश करता. ह्या संस्कारा उपरांत ताका वेदाध्ययनाखातीर गुरुकडेन वचपाचो अधिकार प्राप्त जाता, म्हणजे ताका दुसरो दोळो (नदर) प्राप्त जाता म्हण 'उपनयन' म्हण्टात.

ह्या संस्काराच्या वेळार मुंज्याच्या कमराक 'मुंजतणाची' दोरी करुन बांददतात देखून 'मौजीबंधन' अशें म्हण्टात.

ह्या संस्कारान मुंजो ब्रह्मचर्याश्रमांत प्रवेश करता, ताका जायते नेम-कायदे, व्रतां पाळचीं पड्टात देखून व्रतबंध म्हण्टात.

ह्या संस्कारान भुरग्याक दुसरो जल्म वा द्विजत्व प्राप्त जाता असो समज आसा.

कांय धर्मशास्त्राच्या पुस्तकांप्रमाण हो संस्कार फकत, ब्राह्मण, क्षत्रीय आनी वैश्य हांच्याच मदीं करतल्याची माहिती मेळटा. जाल्यार कांय धर्मपंडीतांच्या मता प्रमाण हो संस्कार करपाचो अधिकार सगळया वर्णांतल्या लोकांक आसा.

आमोणें गांव आनी ताच्या भोंवतणच्या गांवांचो अभ्यास केलो जाल्यार हो संस्कार फकत भट, बामण, शेट, मेस्त, आनी कांकणकार ह्या समाजामदींच मेळटा हेर जातींगेर लग्ना पयलीं थोडें शास्त्र करुन न्हवऱ्याक सूत वा 'जानवें' घालूंक दितात.

सामक्या पूर्विल्ल्या काळार भुरग्याक द्विजत्व वा पूनर्जल्म मेळपाखातीर हो संस्कार करताले अशी माहिती मेळटा. आज मात एक शारीरीक संस्कार इतकेंच ह्या संस्काराक म्हत्व उल्लां.

धर्मशास्त्रांत खंयचे जातीच्या भुरग्याक खंयच्या वर्सा मूज बांदची हें सांगलां. ब्राह्मणाक आठव्या वर्सा, क्षत्रीयाक इकराव्या वर्सा, वैश्याक बाराव्या वर्सा मूज बांदची अशी माहिती मेळटा. ह्या संस्काराची निमाणी वयोमर्यादा अशी : ब्राह्मण : सोळा, क्षत्रीय : बावीस, वैश्य : चोवीस.

पूर्वील्ल्या काळार मुजिचो संस्कार हो एक विद्यासंस्कार आशिल्ल्यान फकत अध्ययनाक वा शिक्षणाक योग्य अशा भुरग्याकच मुज बांदताले. मोने, भेरे, कुड्डे पांगळे अशा भुरग्यांक हो संस्कार करनाशिल्ले. जेन्ना ह्या संस्काराक एक शारीरीक संस्कार म्हण म्हत्व आयलें तेन्नाच्यान अशें शारीरीक व्यंग आशिल्ल्या भुरग्याकय मूज बांदूक लागले.[६]

पूर्विल्ल्या काळार हया संस्काराचें रुप सामकें सादें आशिल्लें. त्यावेळार चड करुन भुरग्याचो बापुयच भुरग्याचो गुरु आसतालो. हातांत 'समिधा' घेवन भुरगो गुरुकडेन वतालो आनी गुरु ताचें कूळ-गोत्र विचारुन ताचो शिष्य म्हण स्वीकार करतालो. थंयच्यानच ताच्या विद्याभ्यासाची सुरवात जाताली. उपरांत ह्या संस्कारागदीं धर्मकांड शिरकलें आनी जायत्या शास्त्र-विधींचा आस्पाव जालो.[७]

अतिप्राचीन काळार 'चलयांकय' मूज बांदपाची चाल आशिल्ली. [illegible], [illegible], [illegible] गावाक तिका विद्यादान करपाचो अधिकार आशिल्लो.[८] आतंय कांय [illegible] चलयांक मुज बांदपाची चाल आसा.

मुरग्याच्या मुंजीत यजमानपण करपाचो पयलो अधिकार बापायचो. बापूय जितो नासल्यार [illegible] घराण्यांतल्या दुसऱ्या कोणेंय दादल्यामनशान तें काम करूं येता. भास ताका मुंज्याक [illegible] शिकोवप शक्य आसूंक जाय, ताका 'गायत्री' (सावित्री) मंत्र कळपाक जाय.

ह्या संस्काराचे सुरवातेक यजमान आपल्या मुरग्याक ह्या संस्कारान 'द्विजत्व' मेळूं आनी ताका वेदाध्ययनाचो अधिकार प्राप्त जावूं म्हण मागणें करून गणेशपूजा करता आनी पुण्याहवाचन ही करून मंडपदेवता पुजेक लायता.

उपरांत मुंज्याक आपले आवयबरोबर जेवपाक लायतात. त्यानंतर न्हाव्याकडल्यान ताचे केंस कापूंक लावन ताका 'भोंवरो आनी शेंडी' दवरतात. तेल-उदक न्हाणोवन [illegible] आनी गांटवांत हाडटात. बापूय आनी मुंजो हांचेमदीं पुरयत अंतरपाट धरतात, मंगलाष्टकां म्हणटात. मागीर बापूय मुंज्याक न्हेसपाक 'लंगोटी', बसपाखातीर 'मृगाजीन' आनी गळ्यान घालपाखातीर 'जानवें' दिता. ह्या वेळार पुरयत कांय मंत्र उच्चारता.

ह्या नंतर आनीकय कांय विधी जातात आनी यजमान मुंज्याक सूर्यदर्शन घडयता. मागीर मुंजो यजमान्याच्या पांयांक हात लावन ताका नमस्कार करता. यजमान मुंज्याक गायत्री मंत्राचो उपदेश करता.

यजमान, मुंज्याच्या कमराक मुंजतणाची तिनपोडी सरपळी करून बांदता आनी ताच्या हातांत एक 'दंड' (दाणो) दिता.

भट-बामण समाजांतल्या मुंज्याक 'मुंजतणाची', क्षत्रीयाक 'धोणुचे दोरयेची', आनी वैश्याक 'शण नांवाचे वालीची', मूज (सरपळी) करुन बांदपाची चाल आसा. ब्राम्हण मुंज्याचो दंड 'फळसाचो' आनी तो ताच्या माथ्याच्या केंसांक तेंकता इतक्या उंचायेचो आसूंक जाय, क्षत्रीयाचो दंड 'रुमडाचो' आनी तो ताच्या कपलाइतको उंचायेचो करपाक जाय, वैश्याचो दंड 'बेलाचो' आनी तो ताच्या हड्ड्यामेरेन पावता असो करुंक जाय अशें धर्मशास्त्रांत सांगलां.[९]

मुंज्याक दंड आनी मुंज दिल्या उपरांत बापूय ताका, ताचे ब्रह्मचारी जिणेंत पाळपाच्या व्रतांविशीं आनी कर्तव्यांविशीं उपदेश करता.

मुंज्याक करपाच्या उपदेशाचो सारांश असो :

"तुवें आयच्यान ब्रह्मचार्याश्रांत प्रवेश केला, तुवें ह्या मुखार मुतूंक, हागूंक वतना जानवें कानाक लावंक जाय आनी वचून आयल्या उपरांत 'आचमन' करुंक जाय. संध्या-होम नेमान करुंक जाय. गुरुचे आज्ञेंत रावन वेदाभ्यास वेवस्थींत करुंक जाय. हाच्यामुखार बारा वर्सां तुवें कडक ब्रह्मचर्य पाळूंक जाय, अस्तूरेचो भोग घेवंक जायना. सांज-सकाळ भिक्षा मागूंक जाय, तशेंच सांज-सकाळ अग्नीक 'समीधा' ओपूंक जाय. जो तुका भिक्षा घालूंक फाटीं सरचोना अशेच व्यक्तीकडेन म्हळयार तुज्या आवय-बापायकडेनच तूं पयलीं भिक्षेक वच.[१०]"

मुंजो दंड आनी भिक्षापात्र घेवन सगळ्यांत पयलीं आपले आवय म्हऱ्यांत वता आनी "भवति भिक्षां ददातु" म्हुणून भिक्षा मागता. भिक्षेंत ताका जें कितें मेळटा तें तो आपल्या गुरुकडेन दिता.[११]

हें सगळें जाल्या उपरांत मुंज्यान सुर्यास्त जायमेरेन मौन धरुन एकाच जाग्यार उबो रावंक जाय. सुर्यास्ता उपरांत ताणें ब्राह्मणांक जेवण घालूंक जाय.[१२]

मुजिकडेन मुंज्याक नवें नांव दवरपाची चाल आसा. हया वेळार कांय फकाणां–मस्कऱ्योय जातात. मुंजो रागान गेल्याचें सवंग करता, 'आपली चली तुका लग्न करपाक दिता' अशें मामान उतर दितकच तो परतून येता.

मुजी उपरांतचे तीन दीस मुंज्यान कडक व्रत करपाचें आसता. हाका 'त्रिरात्र' व्रत अशें म्हण्टात. कांय वेळा बारा दिसमेरेन व्रत करतात. विद्यार्थी जिणेंत मुखार येवंक शकतल्या कश्टांची ही तालीम आसता. हें व्रत चालू आसतना ताणें आंबट–तिखट खांवक जायना, दिसाचें न्हिदपाक जायना, रातचें जमनीर न्हिदूंक जाय असो आग्रो आसता.[१३]

दिवज :

चलयांक न्हाण येवंचे पयलीं आपल्या कुळदेवाक तांकां दिवज पेटोवंक लावपाची चाल खुद्द आमोण्यांत रावपी मडवळ जातीगेर आसा.

दिवज पेटोवंचे पयलीं एकाद्रे चलयेक न्हाण येत जाल्यार तिच्या हातांतल्यान कसलेंच देवकार्य करुंक फावना असो समज आशिल्ल्यान उपरांत अशा चलयांचीं लग्नां जुळपय कठीण जाता.

वयर सांगला तें घराणें मूळ फोंडें तालुक्यांतल्या बोरये गांवचें देखून तांचीं दिवजां कार्तिक शुध्द पाडव्या दिसा बोरये गांवांत जावपी शांतादुर्गेच्या वसुर्के जात्रेच्या उत्सवाक पेटयतात.

सादारण दनपारच्या बारा वरांच्या अदमासाक 'भार' येता आनी तो पयलें दिवज पेटोवन दिता. त्या दिवजान मागीर हेर दिवजांकान्नी आप–आपल्या मानाप्रमाण आपलें दिवज पेटोवन देवळाचे पांच भोंवताडे काडटात. उपरांत आप–आपले घरवयेकडने वचून दिवजां विसर्जीत करतात.

जे चलयेक दिवज लावपाचें (पेटोवपाचें) आसता, तिका एकाद्रे व्हंकलेवरी सजयतात. तिका पयलेच फावट त्या दिसा साडी न्हेसयतात. तिका करपाचो सगलो शिरंगार, दिवज, तेल, उपासाखातीर फळ–फळांवळ सगळें मामान दिवपाची चाल आसा.

पयल्या दिसाच्यान तिणें व्रतस्थ रावपाचें आसता.

पूर्विल्ल्या काळार मामान भाचयेक खांदार घेवन, तिणें पेटयल्लें दिवज आपल्या हातांत घेवन देवळाचे फेरे काडपाची चाल आशिल्ली. आजुनय कांय मामा भाचयेबरोबर दिवज घेवन भोंवतना दिसतात.

तिळजाकाळीन उपरांत आपल्या [illegible] आनी [illegible] [illegible] [illegible] घालून तांचेकडल्यान आशिर्वाद घेवपाची चाल आसा.

ह्या समाजांत नव्यान लग्न जाल्ल्या जोडप्यान, [illegible] दिवज पेटोवपाची चाल आसा. तशेंच सवायशीण बायलेन आयाव आसामार दिवज पेटोवपाचे आसता.

पयलें न्हाण सुवाळो :

पयलींच्या काळार चलयांचीं लग्नां साधारण सात ते धा वर्सां सदीं जातालीं. [illegible] ताच्याकुनय ल्हान पिरायेचेर चलयांचीं लग्नां जातालीं. देखून पयल्या न्हाणाचो सुवाळो [illegible] घोवागेरूच येतालो. आज शिक्षणाच्या आनी सुदारणेच्या कारणांक लागून चलयांच्या लग्नाचें वय वाडलां. आज कायद्यान अठरा वर्सां पुराय जावंचे पयलीं चलयेचें लग्न करूंक मेळना.

पयल्या न्हाणाची खबर जेन्ना घरच्यांक कळटाली तेन्ना [illegible] ते [illegible] वांट्टाले. काय जाणांगेर तर तिका तीन दिसमेरेन मखरांत बसोवपाची चाल आशिल्ली.

तीन दीस मेरेन ते चलयेक खंयच्याय वस्तीक आपडूंक दिनासिल्ले. अंथरूण, [illegible] तिका वेगळें दिताले. तीन दीस मेरेन तिच्या कपलाक 'दाळ' लावपाची चाल आशिल्ली. तिका आवडीचे खाण-जिनस, तिका तिनय दीस मेरेन करून दिताले. चवथ्या दिसा तिका न्हाणोवन शुध्दिकारांत हाडटाले. तिका हळदी-पिंजरीचें उदक न्हावपाखातीर दिताले. [illegible] आंब्याचें पान दिताले.

न्हावन घरांत हाडटकच पांच जाण सवायशिणी तिची कोंट भरताल्यो. उपरांत [illegible] दिसांकडेन 'गर्भादान' विधी जातालो.

ही चाळीस वर्सां फाटली गजाल. आज अशेतरेन न्हाणाचो सोवाळो कोण करतात. उलटें आपली चली न्हावंक लागल्या हें लिपोवन दवरतात. मात आजुनय गावडी जमातींनीर चलयेक न्हाण येता ते दिसा घरांत गोडशें रांदतात. आज चलयांचीं लग्नां न्हाण येवन खूब तेन्ना जातात आशिल्ल्यान, देव-धर्माच्या कार्यांत तांकां सहभागी जावंक मेळचें हया उद्देशान हे जमातींनी चलयांक न्हाण येतकच भटाकडल्यान 'शुध्दीकरणाचो' होम घालून घेतात.

गांवांत आजुनय कांय घरांनी भश्ट्याचे तीन दीस मेरेन कडेक रावतात.

लग्न :

एका काळार चलयांचीं लग्नां एका विशिश्ट वयार करपाची चाल आशिल्ली. एकादी चली जर लग्नाशिवाय उरली जाल्यार समाज तिका आनी तिच्या घरच्यांक जगप नाका करतालो. एक बायल फकत एकदांच लग्न करूंक शकताली. न्हाण येवंचे पयलीं जर चलयेचें लग्न जालें ना तर तांचे घर 'जाती भायर' दवरताले.

दादले खंयच्याय वेळार आनी कितलेय फावट लग्न जावंक शकताले पूण बायलांक एकूच फावट लग्न जावंक मेळटाले.

कूळ, गोत्र, जात, धर्म, सामाजिक आनी आर्थिक दर्जो जुळटा जाल्यार लग्नां थारायतात. पयलीं गांवांत फकत भटां–बामणांगेरुच कुंडली पळयताले, आज हेरांच्या घरांनीय ती चाल रिगल्या. कुळदेव आनी ग्रामदेवाकय प्रसाद लावन तांचो कौल घेतात.

आतेभाव–मामेभयणीची सोयरीक ही पूर्वपरांगत चलत आयिल्ली सोयरीक. आजय ही चाल चलणुकेंत मेळटा. मावसोभाव–मावशीभयण, बापोलभाव–बापोलभयण हांचे सोयरीकेचेर मात बंदनां आसात.

पयलीं लग्नां जाण्ट्यांच्याच पंसतीन जातालीं. लग्न जायसर व्हंकल–न्हवऱ्याक एकमेकांचें तोंड पळोवंक मेळनाशिल्लें. आज काळ बदलला. 'प्रेमविवाहाचें' वारेंय आज गांवांत भितर सल्लां. आवय–बापायन थारायिल्लें लग्न आसल्यार लेगत चलो–चली एकमेकांक पसंत पडूंक जाय. देणें–घेणें हयोवूय गजाली जमूंक जाय.

एकदां लग्न थारलें म्हण्टकच गोड–साकर खावपाचो विधी करपाचो आसता. आज नवे पध्दतीचो 'साकरपुडो' करपाची चाल गांवांत रिगल्या. पूण हो साकरपुडो गांवचे पारंपारीक रितीन 'गोड–साकर' खाल्या उपरांतच करतात.

१. गोड–साकर

न्हवऱ्याघरच्या लोकांनी व्हंकलेघरा वचपाचें आसता. गांवकार आनी प्रत्येक जातीचो एक तरी जाण्टो वचूंकच जाय. हे विधीक दोनय वाटेचे पांच पांच नाल्ल आनी गोड लागता. हे नाल्ल दोनय वाटेच्या कुळदेवाच्या आनी ग्रामदेवाच्या नांवान गांवकार फोडटा. उपरांत ते नाल्ल कांतून, ते सोयेंत गोड घालून ताचें 'चून्न' तयार करतात. गांवकार त्या चुन्नाच्यो केळीच्या खोल्यार दोनय वाटेच्या देवांच्या नांवान 'वाडयो' घालता आनी मागीर जमिल्ल्या लोकांक वांट्टा. ह्या संस्काराच्या वेळार न्हवऱ्या–व्हंकलेची गरज नासता. दोनय वाटेचे घरांतले जाण्टेले आसल्यार पुरो.

साकर–पुड्याक मात न्हवरो–व्हंकल दोगांय हाजीर आसूंक जाय. साकरपुडो व्हंकलेगेरच करपाचो आसता. दोगांयल्याय देवांचो भोवमान केल्या उपरांत, न्हवऱ्या घरची सवाशीण नवी साडी आनी सगळो साज–शिंरगार दिवन व्हंकलेची व्होट भरता. तिच्या हातांत साकरेचो पुडो दिता. न्हवऱ्या–व्हंकलेन दोगांयनीय एकमेकांक भांगराची मुदी घालपाची आसता. न्हवऱ्या घरच्यान दिल्ली साडी न्हेसून मागीर व्हंकलेन सगळ्या जाण्ट्यांक पांयां पडपाचें आसता.

व्हंकले घरच्यांनी न्हवऱ्याकय हया वेळार नवें वस्त्र दिवपाच चाल सुरू जाल्या.

गोड–साकर खावन जाली तशे दोनीय वाटेचे पुरयत एक जावन लग्नाचो म्हूर्त काडटात, नाल्लाचेर म्हूर्त धरतात.

लग्न थारलें म्हण्टकच, आपल्या सोयऱ्या–धायऱ्यांनी आनी शेजाऱ्या–पाजाऱ्यांनी

न्हवऱ्या–व्हंकलेक 'जेवणाक' करून 'केळवण' दी करपाची चाल आसा.

२. धडवत

लग्न सुवाळ्याखातीर लागपी कपडेय एक बरोसो म्हूर्त पळोवन तया दिसा हाडटात. ह्या कपड्यांक 'धडवत' वा 'सणंग' अशेंय म्हण्टात.

लग्नांत दोनय वाटेच्यांनी एकमेकांच्या मानेस्तांक म्हळ्यार, [illegible], आजो–आजी, मामा–मामी, धेडो–धेडी, भाव–भयण, देव–देवता ह्या सगळ्यांक [illegible] दिवन भोवमान करपाचो आसता.

ह्या सगळ्यांक दिवपाच्या कपड्यांक एक एक खाशें नांव आसा, देखीक : [illegible] दिवपाच्या कापडाक 'गांयपोनो' म्हण्टात. आज्याक वा आजयेक दिवपाच्या वस्त्राक '[illegible]' म्हण्टात. मामाक 'मावळशेलो' दिवपाचो आसता. व्हंकलेच्या मायेक दिवपाच्या वस्त्राक 'ल्हायांशेलो' म्हण्टात. देवाक 'चीर' दिवपाचें आसता.

व्हांकलेचो 'साडो' आनी अंतरपाटाखातीर लागपी वस्तोय त्याच वेळार हाडटात. ह्या मान–पानाच्या कपड्यांशिवाय, घरांतल्या सगळ्यांक आनी लागींच्या सोयऱ्यांक नवे कपडे काडपाच चाल आसा.

धडवत काडूंक वतना, नात्यांतल्या आनी शेजारच्या जाण्ट्यांक आपोवपाची चाल आसा. वाजप–गाजप बरोबर घेवन धडवत हाडूंक वचपाची एकातेंपार चाल आशिल्ली.

लग्नाक वचूंक भायर सरतना, न्हवऱ्या–व्हंकलेक तांच्या तांच्या घराकडेन हे धडवतीचेर बसोवन 'शेंसर' भरपाची चाल आसा.

३. माटोव

लग्नाचो माटोवय विधिपूर्वक घालपाचो आसता. आज लग्नां चड करून रेडीमेड हॉलांनी जातात, तरी पूण पंरपरा म्हण घराकडेन माटोव घालपाची चाल आसा.

लग्नाक पांच दीस आसा म्हळ्यार माटोव घालतात. माटवाक पयली म्हेड गांवकारान पुरपाची आसता. प्रत्येक घरांतलो एकटो तरी माटवाक येवूंकच जाय अशी चाल आसा.

माटवाक 'वोल' आनी 'चादरी' बांदून गांवचो मडवळ सजावट करता. 'सवो' घालपाचें काम ताचें.

न्हवऱ्या–व्हंकलेक लग्नापयलीं तेल लावन न्हाणोवपाचें आसता. तेखातीर एक 'माटोळी' करतात. ही माटोळी गांवच्या मडवळान जिन्याच्यो बडयो लावन करपाची आसता.

माटवा–माटोळेक आंब्यापानांचें तोर्ण बांदतात.

माटवासारकेंच 'रोशयो' (रांदनी) बरीशी वेळ पळोवन, पांच सवायशिणी घालतात.

४. देवकारें

लग्ना पयलीं एक वा दोन दीस आदीं देवकारें करतात. आपल्या देव–धर्माची आनी मेल्ल्या–गेल्ल्यांची याद करुन, तांच्या नांवान कोणाकय उपाशी दवरून तांकां गोड–गोडश्याचें जेवण वाडून आनी नवें वस्त्र बी दिवन तांचो भोवमान करतात. न्हवऱ्याचें/व्हंकलेचें कुळचिन्न आशिल्ल्या झाडाची एक 'खामली' ह्या वेळार दारांत माटवाक पुरतात. आंबो, रुमड, सावर अशेतरेचीं झाडां त्या त्या घराण्याचीं कुळचिन्नां आसतात.

५. चुडो

कांय जाणांगेर देवकाऱ्या दिसा तर कांय जाणांगेर पांच दीस आदी व्हंकलेक चुडो घालतात. कांय जाणांगेर मामान चुडो घालपाची चाल आसा.

चुडो घालपाक वळेराक खास घरा आपयतात. व्हंकलेच्या दोनय हातांक पांचवीं रसमीं कांकणां गड्या नंबरान घालतात. कांकणां घालूंक आयिल्ल्या वळेराचो नवें वस्त, नाल्ल–पड, लाडू, विडो बी दिवन भोवमान करतात.

लग्नाघरातं जमिल्ल्या सगळ्या बायलांक ह्या वेळार कांकणां घालपाची चाल आसा.

एकदां चुडो घालो म्हण्टकच तो बदलतासर चुड्याचें एक लेगीत कांकण फुटूंक जायना. तशें घडल्यार आयब मानतात.

६. व्होंवळीक दिवप

पूर्विल्ल्या काळार लग्नाची व्होंवळीक वा आमंत्रण 'अक्षदा' दिवन दिताले. आज आमंत्रण पत्रीका छापपाची चाल आयल्या.

गांवांत 'माटवाच्या' आदले राती व्होंवळीक दिवपाची चाल आसा. घरातंलो जाण्टो वाजप बी बरोबर घेवन व्होंवळीक दिवंक वता. बरोबर भट, गांवकार आनी मडवळाकय व्हरता. बरोबर गेल्लो भट लग्नाचो म्हूर्त–वेळ सांगता. व्होंवळीकेच्यो अक्षदा घरांतल्या जाण्ट्यान एके तबकडेंत घेवपाच्यो आसतात. घरांत जर दादलोमनीस नासत तर अक्षदा 'हुमऱ्यार' दवरतात. व्होंवळीक सांगूक येतल्यांक निदान 'साकर–उदक' तरी दिवपाची चाल आसा.

एका काळार गांवांत कोणायगेर लग्न–कार्य आसलें म्हण्टकच गांवभरच्या लोकांनी वचून तें सोबोवपाची चाल आशिल्ली. रांदपी, मानाय, वावराडी ह्यो गजाली गांवांत नव्यान रिगल्यांत.

गांवांत अशें लग्न–कार्य आसलें म्हण्टकच कोणेंच आप–आपल्या घरांत चूल पेटोवंक जायना असो जणू नेमच आशिल्लो. घरांतलो एकाद्रो मनीस जेवणाक पावलोना जाल्यार कार्यकारान ताका उगडासान 'पान' धाडून दिवपाची चाल आशिल्ली. माटवाचें जेवण, देवकाऱ्याचें जेवण, पुण्यहवाचनाचें जेवण, लग्नाचें जेवण, खांदयाचें जेवण, पांच परतवणाचें जेवण, गर्भादानाचें जेवण,

अशेतरेन साधारण सप्ताक भर गांवचे लोक कार्यकारागेर जेवणाक येताले. आतां ही चाल बंद पडून गेल्या.

७. पुण्याहवाचन :

लग्ना आदी पुण्याहवाचन वा गांवठी भाशेन 'पुण्यवाचन' करपाचें आसता. चड करून हें लग्नाच्या आदल्या दिसाच करतात.

ह्या वेळार यजमान-यजमानीण जी चड करून व्हंकले-न्हवऱ्याचीं आवय-बापूय आसतात, ती तांकां गांडयेर बसोवन पुण्याहवाचन करतात. 'मंडप देवता' पुजेक लायतात. मंडप देवतेकडेन कार्य बरेतरेन घडचें, कसलेंय विघ्न-आडखळ मदीं येवचें न्हय म्हण मागणें करतात. मंडप देवता पुजेक लायतकच, तिका 'उठयसर' मदीं कसलेंच 'सुयेर सुतक' घडल्यार तें लागू जायना अशें मानतात.

व्हंकलेन 'गवर' (गौरी) पुजेक लावपाची आसता. व्हंकलेन करपाची दोद, दिवली, देवा-आयदनां, घटके तोप बी ह्या वेळार गवरी पुजेकडेन दवरपाचो आसता. घटकेच्या तोंडांत उदक घालून तांतूत विडो आनी पयशे दवरतात. हे पुजेवेळार मातयेचे घा मुठे करून दवरिल्ले आसतात. तांतलो एक 'रोशयां' कडेन (रान्नींकडेन) आनी एक 'घामले' कडेन व्हंकलेक करून दवरुंक सांगतात. उरिल्ले मागीर हेर सवायशिणी व्हरून दवरतात.

भट 'करो' तयार करुन करवलेकडेन दिता. भटाक कितेंय तरी भोवमान दिवनूच हे करो घेवपाचो आसता. यजमानणीन ह्या कऱ्यांत उदक घालपाचें आसता.

न्हवऱ्या आनी व्हंकलेगेर दोनय वाटेन आप-आपले 'आराणें' आनी 'शकुनदिवे' तयार करतात.

८. केंस-कापणी :

ह्या दिसा न्हवऱ्यागेर 'केंस-कापणी' आसता. म्हाल्याक घरा आपोवन न्हवऱ्याचे केंस कापतात. खाड बी काडटात. म्हाल्याक नवें वस्त्र, विडो, लाडू, नाल्ल-पड बी दिवन ताचो भोवमान करपाचो आसता.

९. तेल-लावप :

पुण्यहवाचन जालें तशें न्हवऱ्या/व्हंकलेक आप-आपल्या घरा 'तेल' लावन न्हाणयतात. कांय जाण तेलाक 'हळद' अशेंय म्हण्टात. हळद कुंटून एका आयदनांत घालतात आनी तांतून खोबरेल तेल एक करुन लेप तयार करतात. एके 'जिन्याच्या' बडयेच्या तोंकार आंब्याची पांच पानां

बांदतात. ती बडी पांच जाण सवायशिणी धरतात आनी हळदी–तेलाच्या लेपांत बुडयतात. पावलां, धोपरां, हाताचे तळवे, भुजां आनी माथें अशा पांच जाग्यांनी ती लेपांत बुडिल्ली बडी तेंकयतात. पयलीं चडयतात, मागीर चडयल्लीं तशीच देंवयतात. अशेतरेन पांच फावट करतात.

तेल लायतना तरेकवार होंवयो गावपाची आजय चाल आसा.

काशाची गे वाटली
लोंखडाची गे भाली
आंब्याच्या पानान गे बांदियाली
कापशिणीच्या सुतान गे वेडायाली.

एक पानी हळडुळी
धर्तरि लिंगली
दोन पानी हळडुळी
सुयेक गे गेली

तीन पानी हळडुळी
दांड्याक गे गेली

चार पानी हळडुळी
पानांक गे गेली

पांच पानी हळडुळी
रंगाक गे गेली

चांफेल, धुपेल
खोबरेल गे तेल

तेल से चडियालो
सोळा शे राणियो

फाटीर विणीयो
काय रसीम गोंडे.

तेल लावन जालें तशी न्हवऱ्याक/व्हंकलेक गाटोळेंत न्हाणीयेक [illegible] 'उद्द म्हूर्त' धुतात. म्हणजे एके वल्लेत न्हवऱ्याक/व्हंकलेक पांच धान्यां [illegible] लायतात. उपरांत गाटोळेकडेन ते वल्लेत तीं धान्यां काडटात. [illegible] घालपाचो आसता.

हो उद्द म्हूर्ताचो घाणो उपरांत दळटात. तें पीठ लग्नाच्या [illegible]

गाटोळेंत व्हरतकच न्हवऱ्यावेर/व्हंकलेवेर [illegible] गाटोळेंत एक रुमडाचो रोपो रोयिल्लो आसता ताका पयलीं उदक घालूंक जाय. [illegible] सवयशिणी पांच तांबये घालून न्हवऱ्याक/व्हंकलेक न्हाणयतात.

न्हाणयताना गायतात :

आमी गेल्ली, आमी गेल्लीं
केपेच्या बाजाराक
थंय मेळला एक रुमडाचा रोपा
कुदळ मारिला, लेम निरे काडिला
तेंतू रोयिला तो रुमडाचा रोपा
आळें धरिलां रुमडाक गोड–साकरीचें
शिंपणें लायिलां रुमडाक धंय–दुदाचें
बारा वर्सां जाली रुमडाक खंय आसलेलो
रुमड आसलेलो न्हंय–व्हाळा
रायबाऱ्याच्या पुण्यान रुमड आयला उजळा.

न्हवऱ्याक/व्हंकलेक मामान उबारून माटोळेंतल्यान भायर काडपाची चाल आसा. ह्या वेळार मामाक वस्त्र–विडो दिवन, ताचो भोवमान करतात.

न्हातना आंगार आशिल्ले कपडे न्हवऱ्यान/व्हंकलेकन परतून न्हेसूंक जायनात. ते माटोळी बांदिल्ल्या मडळान व्हरपाचे आसतात.

१०. दळप :

पयलींच्या तेंपार जेन्ना पिठाच्यो गिरणी नाशिल्ल्यो तेन्ना शेजार–पाजारच्यो आनी सोयऱ्यां–धायऱ्यांच्यो सवायशिणी येवन न्हवऱ्याचीं व्हंकलेचीं फकाणां–मस्कऱ्यो करीत देवा–धर्माक उलो करीत दळप दळटालीं. आज हो विधी फकत एक परंपरा म्हुणूनच करतात.

शुभकार्याक शूभ आंकडो म्हण पांच दांतीं मांडटात. पांच जाण सवायशिणीनी तीं वोडपाचीं आसतात. दात्यांत पयलो घाणो न्हवऱ्यान/व्हंकलेन घालपाचो आसता.

दळटना तरेकवार होंवयो गायतात. आपल्या कार्याचें सगळ्या देवांक आपोवणें दिवन कार्य बरेतरेन जावंचें म्हण विनयतात. दातें मांडटकच सगळ्यांत सुरवातेक गायतात.

दातें मांडून गे दात्या केले तिळे
मानाचे उबे गणेस देव,
गणेस देव रे जावूं नाका पयस
मांडी मोडून बैस आमच्या कार्यालागीं.

अशेतरेन सगळ्या देवांक उलो मारल्या उपरांत न्हवऱ्या–व्हंकलेक, राम–शितेच्यो उपमा दीत होंवयो गायतात.

तेंडलेचें तेंडलें गे वयर पिकलें,
संयवर जिकलें गे रामान जानकेचें
शितेन संयवर मांडला म्हण गे
चंद्रेश्वर आयला,
शितेन संयवर मांडला गे बाप्पा घरा.

होंवयो गायता गायता केन्ना पायलेंचें दळप दळून जाता तेंच कळना. उपरांत दळप सोंपोवन दातीं उठयतात.

येते शामेळे गे सातपुडांचे
बत्तीस पानांचे गे पांच विडे
तो विडो काडला गे धतर्रेमायेन हाती
तुमी येयात कार्याक सासवती.

लग्न–कार्याच्या जेवणाक लागपी 'सांबार' (मसालो) य विधीपूर्वक करतात. कैलांत पयलो घाणो न्हवऱ्यान/व्हंकलेन घालपाचो आसता, तशेंच कुंटपाखातीर पयलो फारय ताणेंच घालपाचो आसता.

गावडी जमातीगेर लग्न–कार्याच्या जेवणांत उकडे तांदूळ वापरतात. ते तांदूळ करपाखातीर भातय पांच जाण सवायशिणींच्या हातांतल्यान उकडून घेवपाचें आसता.

११. फुलां :

लग्ना पयलीं न्हवऱ्या घरच्यो कमीत त्यो पांच सवायशिणी व्हंकलेगेर वतात आनी व्हंकलेक

तेल-हळद लावन न्हाणयतात. बरोबर केल्लो सगळो शिंगार निकाळ न्हेसयतात. ह्या वेळार सगळो शिंगार 'पांचव्या' रंगाचोच करपाचो आसता. उपरांत मखरार बसोवन तिची ओटी भरतात. फुलांक जमिल्ल्या बायलांक 'लाडू' वांटटात. हालीं [illegible] जाल्या. फुलांक वांटपाचे लाडू न्हवऱ्या घरच्यानी करपाचे आसतात. कांय [illegible], सगळेच लाडू हाडूंक जाय अशें न्हवऱ्याकारांकडेन उतर करतात.

आमोणें गांवांत ह्या विधीक 'फुलां माळप' अशें म्हणटात. कारण ह्या वेळार न्हवरेकार खूब फुलां व्हरून कंकलेक माळटात. कांय कडेन हाका 'तेल लावप' वा निकटें 'तेल' अशेंय म्हणटात.

'फुलांची साडी' (न्हेसयल्ली ती) कंकलेन परत केन्नाच न्हेसपाची नासता. ती मागीर तिची आंकवार भयण न्हेसता.

१२. बाशिंग :

लग्नाच्या आदल्या दिसा, चडट्यावेळार न्हवऱ्या घरच्यो सवायशिणी वाजप-गाजप बरोबर घेवन वचून बाशिंग घेवन येतात. पूर्विल्ल्या काळार आयच्या सारकीं तयार बाशिंगां मेळनाशिल्लीं. तेन्ना अणशीचे दोरयेचेर तांदळांचो कणो गोमान चिकटावन ताचे एकवीस पोड तयार करताले आनी हे पोड दोनींय वाटांनी गांठ मरून ताचें बाशिंग तयार करताले. ह्या बाशिंगाक 'अवयदाचे गोंडे' बांदपाचे आसता. हें बाशिंग मुद्दाम शेंस घाल्ले बायलेकडल्यान करून घेताले.

आज जरी 'तयार' बासंगां वापरतात आसले तरी पूर्विल्ले कण्याचें बाशिंग बांदून ताचेर मागीर तें तयार बाशिंग बांदतात. तकलेक तोपी, मुंडासो वा फेटो बांदून ताचेर वयर मागीर बाशिंग बांदतात.

'म्हुर्त मणी' हाडपाखातीरय न्हवऱ्या घरच्यो सवायशिणी वाजप-गाजप घेवन शेटीगेर वतात आनी घेवन येतात. पूर्विल्ल्या काळार म्हूर्त मणी फकत भांगराचे करताले आनी घरा हाडून पांच जाण सवायशिणी तो पिडडूकांच्या पांच पोडांचेर गुंथताल्यो.

बाशिंग वा म्हूर्तमणी देवकाऱ्या पयलीं घरांत हाडूंक जायना असो समज आसा. हयो दोनूय वस्ती हाडूंक वतना 'नाल्ल-पड' घेवन वचपाची चाल आसा.

लग्नादिसा धेड्यान न्हवऱ्याक न्हेसोवपाचो आसता. पांच जाण सवायशिणी ताच्या माथ्यार बाशिंग चडयतात. न्हवऱ्याचो भेस कसलेय पध्दतीचो आसूं, ताच्या खांदार उपरणी जायच.

तान लाडू, भूक लाडू
बांदले शेल्याचे पदरी
चाल केला गिरिजे तिरी
गिरिजे पेल्यान कोण गांव ?

म्हार काय बाजार ?
आमकां लागली गरज काय बासंगाची
तें बासींग जाय रघुनाथा पांचदिशी.

आमोणें गांवांत फकत भटांगेरुच व्हंकलेक बाशिंग बांदपाची चाल आसा.

लग्नाक वचूंक भायर सरतना न्हवऱ्याची भयण ताका कोणाची दिश्ट लागनये म्हण ताच्या एका गालाक 'तांबडें' लायता जाल्यार दुसऱ्या गालाक 'काळें' लायता.

हया वेळार न्हवऱ्याक धडवतीचेर बसोवन 'बासंगाच्या कण्यान' शेंसर भरतात. न्हवरो भायर सरतना ताच्या हातांत 'म्हुर्ताचो नाल्ल' आनी तोंकाक सुपारी लायिल्ली सुरी दितात.

न्हवरो लग्न–मंडपांत वचपाक भायर सरता तेन्ना आपल्या आवय–बापायक, देव–धर्माक आनी घरांतल्या सगळ्या जाण्ट्यांक पांयां पडटा. शेजाराक चलूंक–भोवूंक शकना असो कोणय जाण्टो आसल्यार ताकाय घराकडेन वचून पांयां पडपाची चाल आसा.

वाजय वाजय गा वाजंत्र्यांनो
न्हवरो भायर सरतना
आपुल्या आईबाप्पा
न्हवरो पांयां पडटा.

अशेतरेन सगळ्यांचे आशिर्वाद घेवन न्हवरो लग्न–मंडपांत वता. वांटेर मेळपी सगळया ग्रामदैवतांक आनी शिमेदैवतांक विडो दवरुन न्हवऱ्यान मुखार वचपाचें आसता.

पूर्विल्ल्या काळार लग्नां व्हंकलेच्याच घरा जातालीं. आयच्या सारकी वाहनांची बरी वेवस्था नाशिल्ल्यान निदान एक दीस आदी तरी न्हवऱ्यान व्हंकले गांवांत पावपाचें आसतालें. तांची सगळी रावपा–जेवपाची वेवस्था करपाचें काम व्हंकलकारांचेर आसतालें.

आज लग्न–कार्याचे सगळे विधी एकाच दिसा संपुर्णांत हाडपाचे यत्न चलतात देखून लग्ना पयलीं कांय दीस आदी करपाचे विधीय एकाच दिसा गांठयल्ले दिश्टी पडटात.

हेर जातीच्या मानान गांवच्या भटां–बामणांच्या लग्नांनी वैदीक पध्दतीच्यो विधी चड प्रमाणांत केल्ल्यो दिसतात जाल्यार गावडी जमातीच्या लग्नां मदीं तांकां कमी वाव आसता.

१३. सिमांत पूजा :

सिमांत पूजा म्हळयार गांवचे शिमेर केल्ली पूजा. न्हवरो व्हंकलेगांवचे शिमेर पावलो तसो व्हंकलेचो आवय–बापूय ताची त्या जाग्यार पूजा करता. ताचे पांय धुंवन ताका 'राट–दिवो' दाखयता. हया वेळार न्हवऱ्याक कितेंय भेटवण दिवपाचीय चाल आसा. उपरांत न्हवऱ्याक हाताक

धरुन ताची रावपाची वेवस्था केल्ल्या जाग्यार येवन बसपाचें आसता. न्हवरी [illegible] भायर सरतना ताच्या भयणीन, ताच्या एका गालाक 'तांबडें' आनी एका गालाक 'काळें' [illegible] आसता तें ह्या सिगांत पुजेवेळार पुसपाचें आसता. तशेंच येतावेळ न्हवऱ्याच्या हातांत [illegible] सुरीय काडून ववरतात.

लग्न–घटका लागीं पावली तसो न्हवरो लग्न–मंडपांत येता. मागीर [illegible] व्हंकलेक माटवांत हाडटात. ह्यावेळार व्हंकलेक तिच्या मामान उबारुन हाडपाची आसता. व्हंकलेक माटवांत व्हरतना बायलो होंवयो गायतात.

वेवळा फाटल्यो गोटलिणी
दारीं फुलल्यो शेंवतिणी
रामखुटियो कळीयो
लक्ष्मण भरियो झोळियो
उठ गे शिते, गांत गे माळा
झाला लग्नाचा वेळा.

व्हंकले–न्हवऱ्यामदीं अंतरपाट धरुन दोनय वाटेचे पुरयत उबे रावतात. अंतरपाटाकडेन उबे रावतना दोगांयकय तांदळांचे राशीर उबीं करतात. न्हवऱ्यान पश्चिमेकडेन जाल्यार व्हंकलेन पूर्वेकडेन फुडो करुन उबें रावपाचें आसता. दोनीय वाटेचे पुरयत कांय मंत्र म्हणल्या उपरांत मंगलाष्टकां म्हण्टात. मंगलाष्टकांच्या दर कडव्या बरोबर न्हवऱ्या – व्हंकलेच्या माथ्यार अक्षता उडयतात. दोनींय वाटेचे मामा तर अखंडपणान तांच्या माथ्यार तांदळांची धार धरून रावतात. मंगलाष्टकां म्हुणून सोंपलीं तसो मदलो अंतरपाट कुशीन काडटात, न्हवरो–व्हंकल एकमेकांच्या गळ्यांत फुलांच्यो माळो घालतात. व्हंकलेन न्हवऱ्याक माळ पयलीं घालपाची आसता. आज जरी नव्या मोदीचे तरेकवार फुलांचे हार घालतात आसले तरी पूर्वपरांगत सांकून चलत आयिल्ली 'वोंवळांची माळ' घालपाची चाल आजुनय आसा. वोंवळांची माळ घालून जाय जाल्यार हेर फुलांच्यो माळो घालतात.

कांय जाणांगेर उपरांत न्हवऱ्यान व्हंकलेच्या गळ्यांत मणी बांदपाची चाल आसा जाल्यार कांय जाणांगेर 'होम' जाल्या उपरांत मणी बांदतात. मणयांक पांचजाण सवाशिणींनी हात लावपाची चाल आसा.थोड्यांगेर आवय घरचें 'दावल'य न्हवरो ह्यावेळार व्हंकलेच्या गळ्यांत बांदता तर कांय जाणांगेर 'दावल' घालूनच लग्नाक उबें रावपाची चाल आसा.

उपरांत 'मदलस' जाता. जमिल्ल्या लोकांक खावपा–पिवपाक वांट्टात. मागीर जाता 'केळवण'. व्हंकले वाटेचे लोक व्हंकलेक जाल्यार न्हवऱ्यावाटेचे लोक न्हवऱ्याक अहेर करतात. घर–संवसाराक उपेगाक पडटात अशा वस्तींचो अहेर करतात. पूर्विल्ल्या काळार सामक्या नात्यांतल्यानीच अहेर व्हरपाची चाल आशिल्ली, उपरांत लग्नाक येवपी सगळेच जाण अहेर व्हरूंक लागले देखून आज ''उपकार करून अहेर हाडचो न्हय'' वा ''तुमचो आशिर्वाद हीच मोलादीक

केळवण'' अशेतरेचें मागणें आमंत्रण पत्रीकेचेर करपाचो प्रसंग लोकांचेर आयला.

उपरांत जाता कन्यादान. व्हंकलेचा आवय–बापूय, न्हवऱ्याक आनी ताच्या आवय–बापायक बसोवन तांकां आपले कन्येचें दान करता. ह्या वेळार व्हंकलेच्या बापायन ''आपले धुवचो स्विकार कर'' अशी न्हवऱ्याक विनंती करपाची आसता. ''धर्म, अर्थ आनी काम'' ह्या तीन पुरुशार्थांखातीर आपुण तुजे कन्येचो स्विकार करता आनी ह्या तिनय पुरुशार्थांवेळार आपूण तिचो अपमान करचो ना अशें तो ताका वचन दिता. कन्यादान परिपूर्ण जावंचें ह्या खातीर व्हंकलेल्या बापायन भांगराची एक पुतळीय न्हवऱ्याक दान दिवपाची चाल आसा. उपरांत जाता 'सूतवेष्टन'. न्हवऱ्या–व्हंकलेक एकमेकां सामकार उबीं करुन पुरयत सुताचे पांच फेरे तांच्या गळ्या आनी कमरा भोंवतणी गुंटलायता. निमाणें त्या सुताक वेटो घालता. ह्या वेट्याक पिंजर लावन आनी 'हळदीकूट' बांदून दोन दोरे करून व्हंकले–न्हवऱ्याक बांदपाक दिता. न्हवऱ्यान व्हंकलेच्या दाव्या हाताक जाल्यार व्हंकलेन न्हवऱ्याच्या उजव्या हाताक हो दोरो बांदपाचो आसता. हाका 'कांकणदोरो' म्हण्टात. कांकणदोरो बांदलो तसो कन्यादानाचो विधी पुराय जाता.

आता व्हंकलेक न्हवऱ्याघरची साडी म्हणजे 'साडो' न्हेसपाक दितात. हाका कांय जाण 'साकर साडी' अशेंय म्हण्टात. व्हंकलेक लागता तो सर्वंय शिंरगार न्हवऱ्यान दिवपाचो आसता.

न्हवऱ्याचो साडो न्हेसोवन व्हंकलेचें गोत्र बदलतात, म्हणजे व्हंकलेक न्हवऱ्याल्या गोत्रांत काडटात 'होम' जाता. काय जाण ह्या होमाक 'लाजाहोम' म्हण्टात. 'ल्हायां–होम' म्हणपाचीच चाल आसा. ह्या होमांत न्हवऱ्या–व्हंकलेन ल्हायो घालपाच्यो आसतात. ह्यो ल्हायो तांच्या हातार तिच्या व्हडल्या भावान घालपाच्यो आसतात. ह्या कामाखातीर न्हवरो ताका 'ल्हायांशेलो' दिता. होमा खातीर उजो करवलेन हाडपाचो आसता, त्या खातीर व्हंकलेन तिका साडी दिवपाची चाल आसता. ह्याच वेळार व्हंकलेच्या भावान व्हंकलेच्या पांयांत 'सोलवेडे' घालपाचे आसतात. कांय जाणांगेर व्हंकलेची भयण हें काम करता. मागीर न्हवऱ्याचे भयणीन (लग्न जाल्ले) व्हंकल–न्हवऱ्याचें 'गांठवल' बांदपाचें आसता. व्हंकलेच्या खांदावयली पामरी आनी न्हवऱ्याच्या खांदावयली उपरणी घेवन दोनांचींय पोतां एक करुन गांठ मारतात.

गांठवल बांदतकच न्हवरो व्हंकलेच्या हाताक धरुन होमाचे पांच फेरे काडटा. होमाकडेन तांदळांच्यो पांच पुंज्यो घाल्ल्यो आसतात, दर फेऱ्याच्या शेवटाक व्हंकलेन एक एक पुंजेर पांय दिवन मुखार वचपाचें आसता. निमाण्या फेऱ्याक न्हवरो, व्हंकलेचो पांय गंदाचे साणीक घस्टून तिचें आंगठ्याचे बोट वोडटा. ह्या वेळार व्हंकलेन आपलो तोल सांबाळून रावंक जाय. फुडाराक संवसारांत ती आपलो कितलो तोल सांबाळूक शकतली हे पळोवपाचो हेतू आसता.

ह्या नंतर एकमेकांचे आराणे, करे, शकुनदिवे बी बदलतात.

व्हंकलेकडल्यान वायणांची पुजा करून घेतात. एकवीस, एकावन्न अशे गडे नंबरांनी वायणांखातीर नाल्ल घेतात. वायणांखातीर लागपी नाल्ल न्हवऱ्या घरच्यांनी हाडपाचे आसतात. व्हंकलेन आपल्या घोवाल्या आनी कुळाच्या देवांक वायण उखलसून दवरल्या उपरांत दोनींय वाटेच्या सवायशिणींक वायण दिवपाचें आसता.

'व्होंवरानें' शेंसर भरपाचें आसता. व्हंकले घरचीं पांच आनी न्हवऱ्या वाटेचीं पांच व्होवरां

बसयतात. हें शेंसर मस्ताक तांदूळ न्हवऱ्याकाशन दिवपाचें आसतात. एक मुठी, दोन मुठी अशेतरेन हे तांदूळ मागपाची चाल आसा. शेंसराचे तांदूळ मागीर मडक्यांनी व्हरपाचे आसतात.

ह्या उपरांत जातात 'अष्टवर्गी'. न्हवऱ्या घरच्या आठ जाण दादल्यांक व्हंकलेन ते दिवप पयलेच फावट कमीत ते पांच तरेच्या फळांचें जेवण वाडपाचें आसता. ह्या फळांच्या वयल्या पानांवयल्यान व्हंकलेन निमाणें तुपाची धार सोडूंक जाय. ही धार सोडताना मदीं तुटूंक जायना, तुटल्यार व्हंकल रोकडेंच नातें तोडटली असो समज आसा. गांवांत मागडी जातीतल्या घरभरवणी घरा वेली म्हणटकच व्हंकलेक वाळून दवरिल्ली शिताची वाळणी (मडकी) उदकी करूंक सांगतात आनी मागीर तिका पांच जाण दादल्या मनशांक वाडूंक सांगतात.

व्हंकलेक तिचो आवय-बापूय 'ओंपून' दिता, म्हळ्यार न्हवऱ्याच्या आवय-बापायक तिका अर्पण करता आनी मागीर घरभरवणी न्हवऱ्यागेर वचूंक भायर सरता. ह्यावेळार न्हवऱ्याच्या हातांत एक नाल्ल दितात. तो नाल्ल व्हंकलेन वर्सभर सांबाळून दवरूंक जाय आनी दर वेळा कुळारा येतना आपल्या बरोबर हाडूंक जाय.

घरभरवणी भायर सरतना न्हवऱ्या-व्हंकलेन व्हंकले घरच्या जाण्ट्यांक पांयां पडून आशीर्वाद घेवपाची चाल आसा. व्हंकलेक संवसाराक उपेगा पडटा अश्यो वस्ती आवय-बापायन ह्या वेळार दिवपाची चाल आसा. देखीक : कुलच्यांव, उशीं, गळशिरेचो तांबयो, घागर-कोळसो, घटकेचें तेल, दिवली, देवपुजेचीं आयदनां, ताट-तांबयो बी. व्हंकलेक दिवपाच्या कपड्यांमदीं काळ्या रंगाचो कपडो आसूंक जायना. व्हंकलेन केल्ल्या भरप-विणपावयल्यान तिचे गूण पारखुवपाची चाल पडिल्ल्यान हालीं तेंपार अश्यो कला-कुसर केल्ल्यो वस्तीय व्हंकल बरोबर व्हरता.

व्हंकले बरोबर तिच्या सांगाताक धेडी वता. व्हंकल जेन्ना पांच परतवणाक आवयगेर येता तेन्नाच ही धेडी परती येता. पूर्विल्ल्या काळार आमोणें गांवांत व्हंकलेबरोबर दोन धेडयो वताल्यो. एक जातीची, दुसरी बन्न्यांची. जातीची धेडी ल्हान आसल्यार चलताली. मात बन्न्यांची धेडी व्हडली आसूंक जाय आसताली. नव्या वातावरणांत गोंदळिल्ल्या व्हंकलेक ती जायत्या गजालींची जाणीव करून दिवन धीर दिताली. धेडयेक परती धाडटना तिका न्हवऱ्यान किल्लेय तरी भेटवस्त दिवपाची चाल आसा.

एका तेंपार घरभरवणी भायर सरपाच्या वेळार व्हंकलेक 'घुरयां' लिपोवन दवरपाची चाल आशिल्ली. लिपोवन दवरिल्ले व्हंकलेक मागीर न्हवऱ्यान सोदून काडप. हो भाग फकाणां मस्कऱ्यांत मोडटा आसलो तरी त्या फाटल्यान वेगळो अर्थ आसूंक जाय.

व्हंकल आनी न्हवऱ्याची आवय म्हणजे वेणी-वेणी दोगांयनींय एक जावन ह्यावेळार दोगांच्याय कापडांचे पदर एकठांय करुन ते धुवपाची चाल आसा. हाका 'खळ धुवप' म्हण्टात. हीं खळ धुल्याशिवाय दोगांयनींय एकमेकांगेर जेवूंक जायना असो समज आसा.

१४. घरभरवणी भितर सरतना :

घरभरवणी गांवांत पावतकच नव्या जोडप्याक गांवच्यांनी राट-दिवो दाखोवन येवकार

दिवपाची चाल आसा.

घरभरवणी न्हवऱ्याच्या घराकडेन पावतकच न्हवऱ्याचे भयणीन (लग्न जाल्ले) दार आडावन उबें रावपाची चाल आसा. तरेकवार विनवण्यो करून लेगीत तिणें दार काडपाचें नासता. शेवटाक जेन्ना न्हवरो तिच्या पुताक आपली धूव लग्न जावपाखातीर दितलो अशें उतर दिता तेन्नाच तिणें दार काडपाचें आसता. दार धरपा वेळावयली होंवी अशी :

साता समिंदरा गे भायर
केळीचा गे पींड
थंय वर न्हावच्या गेला
भयणीचा गे भाव.

खबर कळ्ळी गे म्हाजे
सुभद्रे भयणी
उरी दोंगर घालून गे आयली
भावाची गे भयण.

दार धरून गे भयण
कशानी गे उबी ?
दार धरून गे उबी बंदवा
म्हाज्या कारणासाठी.

दीन दीन गे भयणी
दारींतला गे माड
झोड मोड येयत बंदवा
मोडून रे जायत,
दिल्लें नांव रे बंदवा
कशें रे येयत ?

दीन दीन गे भयणी
थाली गे ताम्हण,
चोर चांडाळ येती बंदवा

मोडून गे आयत,
दिल्लें नांव रे बंदवा
कशें रे येयत ?

दीन दीन गे भयणी
गोठ्यांतली गे गाय,
रोग–पाशी येती बंदवा
मरून गे आयत,
दिल्लें गांव रे बंदवा
कशें रे येयत ?

दीन दीन गे भयणी
थोर्टें गे पांगूळ
हेंवूय मेट भयणी
कोणाचें गे सांग ?

(ह्या वेळार भयणीन आपल्या घोवाचें नांव घेवन ताचे मेट म्हण सांगूंक जाय.)

भयणीन दार सोडलें तशी घरभरवणी भितर सरता. व्हंकलेन आपलें उजवें पावल पयलीं भितर घालूंक जाय. हें पावल भितर घालतना तिणें हुमऱ्यार भरून दवरिल्ल्या तांदळाच्या मापाक पांय लावन तें लवडूंक जाय. लंवडिल्ल्या मापांतले तांदूळ घरांत भितर पडूंक जाय. ह्या तांदळांवयल्यान चलत व्हंकलेन घरांत भितर सरपाचें आसता. न्हवऱ्याचे भयणीन व्हंकलेक हातान धरून घरांत भितर, देवाकुडींत व्हरपाचें आसता. थंय कांजीण तयार केल्ली आसता. हे कांजीणींच्या म्हणजे कळश्यांच्या पोंदाक एके केळी शिर्तेर घालून तांदूळ दवरिल्ले आसतात.

कांजीणीक मांडिल्ले कळशे एक एक करून व्हंकलेन सकयल दवरपाचे आसतात आनी उपशिल्ले तशे परत मांडपाचे आसतात. अशे पांच फावटी करप. निमाण्या फावटी मुखल्या कळशांत दवरिल्ली भांगराची वस्त व्हंकलेन काडपाची आसता. कांजीणींत दवरिल्ली वस्त व्हंकलेखातीर आसता.

व्हंकल कांजीण उत्तरायता त्यावेळार सवाशिणी गायतात :

धर्ती शेण काडिलां गावित्रिचें
त्यावर ठेविली केळीची शिरटी,

त्यावर घातले साळ–दाळीचे तांदूळ,
त्यावर ठेविला सवर्ण कांजीण
कांजीणींत हात घातला रायरूक्मिणीन
तिवय मुदी दी गे सुने,
मांय–मावाकडेन जतनी.

कांजीण जातकच व्हंकलेक घोवाल्या घरचें म्हण नवें नाव दवरतात. आपल्या बोटांतली मुदी काडून, ते मुदयेन न्हवऱ्यान व्हंकलेक दवरपाचें नांव साकरेच्या ताटांत बरोवपाचें आसता. ती साकर मागीर जमिल्ल्या लोकांक व्हंकलेचें नवें नांव सांगून साकर वांटप.

उपरांत घरांतल्या सगळ्या जाण्ट्यांक न्हवरो–व्हंकल पांयां पडटा आनी तांचे आशिर्वाद घेतात. हे 'पांय पडणेक' मांय–मावान नवे सुनेक कितेंय तरी भेट दिवपाची चाल आसा.

ह्या नंतर न्हवऱ्याची भयण बांदिल्लें तशें गांठवल सोडयता. हें गांठवल सोडयतना तिणें आपल्या घोवाचें उमाण्यांत नांव घेवंक जाय.

१५. गंद–चपके :

व्हंकलेक गंद झरोवंक लायतात आनी त्या गंदांत हाताचे चपके बुडोवन तिणें घरांतल्या सगळ्या जाण्ट्यांच्या हड्ड्यार लावपाचे आसतात. इतको तेप कार्य कशें जातलें हया हुस्क्यान वयर–सकयल जावपी काळीज गंदाचे शितळसायेन थंड जाता अशें मानतात :

गंद झरय गे गंदसाणी
तेंतूत बुडले चपके,
तेंवूय गंद धतरि लावा
तेंवूय गंद स्वामी भर्तारा लावा
तेंवूय गंद मांय–मावाक लावा
तेंवूय गंद सर्वच जाण्ट्यांक लावा.

म्हणत सगळ्यांक गंदाचे चपके लायतात.

मागीर कांय शास्त्र–विधी करुन पुरयत मंडप–देवता उठयता.

उपरांत पांच जाणी बायलो न्हवऱ्याचें बाशींग देंवयतात. हातांक बांदिल्ले कांकणदोरे सोडोवन व्हंकलेक तुळशींत व्हरून दवरूंक लायतात. ह्या वेळार जायती फकाणां–गस्कऱ्यो जातात. व्हंकलेक न्हवऱ्याचें नांव घेवपाक लावप, धेड्या-धेडयेचीं फकाणां मारप अशे प्रकार जातात. बाशींग पोडांची फाती न्हवऱ्या–व्हंकलेक दोगांयकय सोडोवपाक लागतात आनी कोणाचे पयली सोडोवन

जाता तें पळयतात. बाशिंगा पोडाचे पांच पोड व्हंकलेन पाच दीसमेरेन आपल्या माथ्यांत माळिल्ले आसतात. उरिल्ले पोड हेर सवार्यशिणींक माळपाक दितात.

पूर्विल्ल्या काळार लग्नां भुरगेपणांत जातालीं तेन्ना गर्भादान वा 'ऋतुशांत' व्हंकलेक न्हाण आयल्या उपरांत करताले. आज हें सगळें लग्नाच्या दिसाच पडटा.

गर्भादानाचो होम घालतात ते राती व्हंकले – न्हवऱ्याचें हांथूण एकठांय घालतात. हांथुणार बसोवन व्हंकलेची सवायशिणी वोट भरतात. तिका दूद पियेवपाक दितात. व्हंकलेच्या मांडयेर दुदांचें रोस पिळपाचीय कांय घरांनी चाल आसा. न्हवऱ्या-व्हंकलेक दोगांयक 'विडो' खावपाक दितात. ह्या दिसा न्हवऱ्या – व्हंकलेचें हांथूण घालपाचो अधिकार न्हवऱ्याच्या लग्न जाल्ल्या व्हडल्या भयणिचो. दुसऱ्या दिसा सकाळीं उठ्ठना न्हवऱ्यान हांथूणा पोंदा पयशे दवरपाची चाल आसा. ते पयशे हांथूण घालपी भयणीन व्हरपाचे.

लग्नाच्या दुसऱ्या दिसा 'खेळी–मेळी' करतात. एका फांतराक वालो वी गुंडलावन 'बाळ' करतात. ह्या बाळाक व्हंकले–न्हवऱ्यान दोगांयनींय धरुन खेळोवपाचो आसता. उपरांत ह्या बाळाचेर करोली कन्याचें उदक ओत्ता. हें उदक जाण्टेलीं आपल्या हड्ड्याक लावन 'शुद्ध' करतात. व्हंकल–न्हवरो हें उदक एकमेकांचेर वडोवन खेळटात. मस्कऱ्यो करपाखातीर म्हण शेणाचें, गोबराचें उदक बी जमिल्ल्यांचेर रकयतात. कन्याचें उदक सोयऱ्या–शेजारच्या आंकवारांच्या माथ्यार मुद्दाम ओततात. कन्याचें उदक माथ्यार पडलें तशें रोकडेंच लग्न घारता असो समज आसा.

१६. खांदो दवरप :

लग्नाच्या पयलीं दारांत जी खामली वा खांदो पुरिल्लो आसता तो पांचव्या दिसा कांय पुजा–विधी करुन उठावपाचो आसता. व्हंकलेन ह्या खांदयाची पुजा करुन ताका नैवेद्य दाखोवपाचो आसता. इतके दीस मेरेन माथ्यांत माळिल्ले बासंगाचे पोड ह्या दिसा केळींच्या झाडाचेर व्हरून दवरप. ह्या वेळार केळीमुळांत दिवो पेटोवन दवरपाचो आसता. खांदो चडट्या वेळार दवरपाचो आसता.

व्हंकलेचो चुडो ह्याच दिसा बदलपाची चाल आसा. चुडयाचीं पांचवीं काकणां काडून तांबडीं कांकणां घालतात.

घोवाल्या घरचो खांदो दवरून मागीर आवयल्या घरचो दवरतात.

१७. पांच–परतवण :

पांच–परतवण म्हळ्यार पांचव्या दिसा व्हंकलेच्या घरा परतुवप. पांच–परतवणाचें आपोवणें घेवन व्हंकलेचो भाव येता.

व्हंकल–न्हवरो, घेडो–घेडी आनी हेर लागीचे शेजारी–सोयरे व्हंकलेगेर वतात. थंय तांची

बरी उठ–बस करतात. बरें जेवण वाडपाचें आसता. परत वतना सगळ्यांक कितेंय तरी भेट दिवपाक जाय.

कायं जाणांगेर पांच–परतवणाक, शागोतेक लागपी कोंबे जांवयान दिवपाची चाल आसा.

पांच–परतवण केलें ना जाल्यार आवय–बापायच्या मड्याक लेगीत धुवेक–जांवयाक वचूंक मेळना. देखून लग्ना दिसाच पांच–परतवणाचो 'बाद मोडटात.' उपरांत इत्सा आसल्यार पांचव्या वा हेर खंयच्याय दिसा थाटान सुवाळो करतात.

नवे व्हंकलेच्यो वर्सभर खूब अर्थ–अपुरबायो जातात. वर्सभर येवपी सणा–परबांक तांच्या वांट्याक खूब सुवाळे येतात.

'पासडी' (पाश्टी) न्हेसोवप ही अशीच एक चाल. नवे व्हंकलेची संवसार पाडव्या दिसा सोयऱ्या–धायऱ्यांक आपोवन नवी साडी न्हेसोवन, फुलां बी माळून 'व्होट' भरतात. आमोणें गांवांत पासडी घोवागेर न्हेसोवपाची चाल आसा. गोंयांत कांयकडेन पासडी आवयगेर न्हेसयतात.

पासडेक आयिल्ल्या बायलांक लाडू वांट्टात.

नवे व्हंकलेक चवथीक आनी दिवाळेक कुळारच्यान 'वजें' धाडपाची चाल आसा. तरेकवार खाणांचे जिनस, फळ–फळांवळ, भाजीपालो, कड्डणां–शिवाय जांवयाक पाट, सत्री, धुवेक साडी तबकडी अश्यो संवसारपयोगी वस्ती धाडटात. खंयच्या वज्यार खंयची वस्त धाडपाची हें थारिल्लें आसता.

नायक जातीगेर चवथीच्या वज्याक 'खारें–नुस्तें' आनी 'जोतें' धाडपाची चाल आसा.

वज्याक धाडिल्ल्यो खाणाच्यो आनी कड्डण–भाजयेच्यो वस्ती गांवांत वांटपाची चाल आसा.

वजें घेवन येवप्याचो मान–पान करपाची चाल आसा.

लग्नाच्या पयल्याच वर्सा, व्हंकलेक घोवा घरच्यान 'आषाढ वजें' धाडपाचें आसता. ह्या म्हयन्यांत व्हंकल आवयगेर रावपाक गेल्ली आसता देखून हें वजें घोवा घरच्यान आवयगेर व्हरपाचें आसता.

वजें घेवन गेल्ल्यो सवायशिणी व्हंकलेक 'फुलां माळटात.' ह्या फुलांक 'आषाढ फुलां' म्हणटात.

आषाढ फुलांचे लाडू गांवांक वांटपाची चाल आसा.

शेंस विधी :

पूर्विल्ल्या काळार गांवच्या बन्ने आनी कलवंत जातीगेर चलयांक लग्न करनाशिल्ले तर ते बदला तांका 'शेंस' घालताले. सरकारान ह्या विधीचेर बंदी घाल्ल्यान आनी गांवांत जाल्ल्या सामाजिक परिवर्तनाक लागून फाटल्या चाळीस वर्सांसाकून ही चाल बंद पडल्या.

लग्नाखातीर ज्यो ज्यो विधी करतात त्यो चडश्यो शेंस घालपा वेळार करपाच्यो आसात. हांगा

फरक इतलोच की, न्हवरी म्हण एके बायलेकडेन वागप्याची भेस घेनक [illegible] [illegible] तिची जातकच कंकलेन निमाणे तुळशीक उदक घालपाचें आसता.

गोयांत कांय कडेन मुण्येक माळ घालपाची चाल आसा.

पयलींच्या तेंपार लग्नाभाशेनच, शेस विधीय चलयेक न्हाण दिवचे पयलीं करताले आशिल्ल्यान 'हात लावणी' तांकां न्हाण आयल्या नंतर करताले. ह्या वेळार [illegible] [illegible] [illegible] तिका 'विडो' दितालो. म्हणजे तिका अगुकच पयशे दिवपाचे घालयन ना [illegible] [illegible] [illegible] 'नायकीण' म्हण स्वीकार करतालो. उपरांत विडो दिल्ले अशे कांय जाण, [illegible] [illegible] [illegible] दिवन आयुष्यभर खर्यांनीच तिचो सांबाळ करताले, जाल्यार कांय जाण 'नवो गो' [illegible] [illegible] तिका सोडटाले.

कलवंत जातीच्या शेंसविधी वेळार 'चंद्रेश्वर देवाच्या' आंगावयले चीर न्हेसपाची चाल आशिल्ली. ह्या चीरा बदला देवाक नवें चीर दिवंचें लागतालें.

कापड न्हेसप :

एकाद्रो दादलो जेन्ना एकाद्रे 'रांड' बायलेकडेन लग्न जाता तेन्ना त्या लग्नाच्या प्रकाराक 'कापड न्हेसप' अशें म्हण्टात. हो प्रकार गांवांत गावडी जमाती मदीं चड चालांत आशिल्लो. आतंय कांय प्रमाणांत तो दिसता.

जिचेकडेन लग्न जावपाचें आसता, ते बायलेक घेवन न्हवरो गांवचे भिमेर वेता. थंय तिच्या आंगावयलें कापड सोडोवन वडोवंक लावन तिका आपणें केल्ले नवे कापड न्हेसूंक लायता आनी मागीर आपल्या देवा–धर्माचें नांव घेवन तिचो बायल म्हण स्वीकार करता आनी आपल्या घरा घेवन येता. कापड न्हेसपाचो हो विधी तिनीकात्रीच्या वेळार जावंक जाय.

फकत एका कापडाच्या खर्चान बायल मेळटा आशिल्ल्यान ह्या लग्नाक 'कापड न्हेसप' अशें म्हणटात. अशेतरेन लग्न जाल्ले बायलेक 'कापडाची–बायल' म्हण्टात. तिका देव–धर्माच्या कार्यांत हेर सवायशिणी सारको वांटो नासता.

गुरवारणिचीं फुलां :

एकाद्रे बायलेक जेन्ना पयले फावट 'दीस वतात' तेन्ना तिच्या आवय–घोवाल्या घरच्यांक खूब खोस भोंगता. आपली खोस तिच्यो तरेकवार अर्थ–अपुरबायो करुन ते उक्तायतात.

पांचव्या म्हयन्यार तिका 'पांचवीं फुलां' माळटात. ह्या फुलांक 'वेळ करप' अशेंय म्हण्टात. ह्या वेळार शूभ म्हूर्त पळोवंचो लागता. एकदां हीं फुलां माळ्ळीं म्हण्टकच मुखावयलीं फुलां केन्नाय माळूं येतात. पांचवीं फुलां घोवागेर माळपाचीं आसतात.

ह्या दिसा तिणें सगळो पांचव्याच रंगाचो भेस करपाचो आसता. पाचवीं कांकणां, पांचवी

साडी, पांचवो पोलको बी. तिका खूब अळंकारांनी सजयतात. खूब फुलांच्यो फांतयो माळटात. नवी साडी घालून पांच जाण सवायशिणी कडल्यान तिची व्होट भरून घेतात. हरशी व्होट भरपाखातीर नाल्ल जायच. पूण गुरवार बायलेचे व्होटयेंत नाल्ल घालूंक जायना. फुलां माळपाच्या वेळार म्हऱ्यांत ल्हान भुरग्याक बसयतात. फुलांक आयिल्ल्यांक लाडू वांट्टात.

पांचव्या फुलां उपरांत, सातवीं फुलां माळटात. हीं फुलां घोवा घरचींच आसतात. ह्या वेळार पांचवो शिरंगार करपाची गरज ना. सर्वसादारणपणान फुलांक दादले वचपाची रीत ना. मात गांवांत मडवळ जातीगेर फुलांक दादले मुद्दाम वतात.

गुरवारणी मुखार तरांतरांची फळांवळ मांडटात. आंगलीं, तोपरीं, खेळणीं अशे तरेकवार आकार दिसपी खाणां करून मांडटात. मांडिल्ल्या फळां–खाणांमदलें कितें आवडटा तें गुरवारणीन काडून खावपाचें आसता. आंबो, लाडू, पेडो अशें कितें खायत तर चलो जातलो आनी केळें, बर्फी बी खायत तर चली जातली अशें मानतात.

सात म्हयन्याचीं फुलां माळून त्याच दिसा गुरवारणीक आवयगेर घेवन वतात. पयलो बांळटेर आवयन काडपाची रीत आसा.

णव्या म्हयन्यार हेच पध्दतीन आवयगेलीं फुलां माळटात.

गांवांत फकत भटांगेरच फुलांच्या वेळार घोवाक बसोवन थोडे विधी करतात. शेंस घाल्ले बायलेकय फुलां माळटात. गावडी जमातीगेर मात फुलां माळपाची चाल ना.

मरणसंस्कार :

मरणाचो वेळ लागीं पावलो तसो त्या मनशाक हांथुणावयल्यान सकयल काडून निवळ शेंदरेर न्हिदयतात. न्हिदयतना ताची तकली दक्षिणेचे दिशेन करपाची आसता. ताका उदारो न्हिदयतात. ताच्या तोंडांत देवाचें तीर्थ वा गंगाजल घालतात. भस्म, गंद, आंगारो, तुळशींतली माती, तुळशी पानां असल्या पवीत्र वस्तींनी ताची कूड सजयतात. त्या मनशाक पूत आसल्यार ताणें ताका मांडी दिवपाची आसता. देवाचे मंत्र–जप चालू करतात. ह्या वेळार दान दिवपाचीय चाल आसा. ताच्या म्हऱ्यांत दिवली पेटोवन दवरतात. धूप–उजवाती जळटात. सगळें वातावरण प्रसन्न दवरतात.

प्राण गेलो तसो त्या मनशाचे तोंड–दोळे उगडे आसल्यार धांपतात. हात–पांय सरळ करतात. ताका पावळे भायर व्हरून न्हाणयतात. नवें वस्त्र घालतात. भश्टे वा गुरवार बायलेन मडें पळोवपाचें नासता.

पावळे भायर एका जाग्यार शेण सारोवन जमीन नितळ करतात. थंय 'किरवड' (खिरवड, तिरवड) म्हळयार मडें व्हरपाक केल्ली निसण तयार करून दवरतात. किरवडीक बारा पावणे करपाचे आसतात.

केळीच्या आख्ख्या पानार मडें दवरून त्या पानासयत मागीर मडें किरवडीर चडयतात. उपरांत मड्यार 'धवाटें' वोडटात. धवट्यांतल्यान तोंड आनी पांयांचे तळवे उगडे दवरपाचे

आसतात. ह्या धवाट्याचो एक तिगंटो काडून कडेन दवरतात. बाकल्याचे त्रिपेड करून जानव्यासारको वापर करतात.

प्रेत मसणेंत व्हरचे पयलीं कांय क्रिया करपाच्यो आसतात. मेल्लो मनीस जर दादलो आसत आनी ताची बायल जिती आसत तर तिका नवें कापड दी नेसयतात, धव कुडें हातांत कपलभर कुकूम लायतात, हातभर कांकणां घालतात. पांच जाण सवाशिणी तिची ओटी भरतात. उपरांत कोणय रांड बायल वा दादलो तिका उठोवन भायर मड्या म्हऱ्यांत व्हरता. तिचो सगळो शिरंगार काडून मड्यार वडयता. तिच्या कपलाचें पुसता, कांकणां फोडटा. उपरांत ताई व्हडें करून तिका पावळ्यांत थंड उदक न्हाणोवन घरांत भितर हाडटात. हें सगळें रांडपणाचें सवाशिणींनी पळोवपाचें नासता.

एकाद्री रांड बायल मेली जाल्यार तिका तशीच व्हरतात. सवाशिणीक मेल्ल्यार तिका सगळो आयावपणाचो शिरंगार करुन व्हरतात. अशें मरण भाग्याचें मानतात आनी तें भाग्य आपल्याय वांट्याक येवंचें अशें मानून सवाशिणी तिची ओटी भरपाखातीर मुद्दाम येतात.

किरवड चौग जाण उबारुन खांदार घेतात. आवय-बापायच्या मड्याक पुतान्नी खांद दिवपाचो आसता. आवय-बापायची क्रिया करपाचो अधिकार व्हडल्या वा निमाण्या पुताक. पूत नासल्यार तो अधिकार जांवयाक. बायलेची क्रिया घोवान करपाची आसता तशेंच आपल्या पुताची क्रिया बापायन करपाची आसता.

धर्मशास्त्राप्रमाण जरी धुवेक आपल्या आवय–बापायची क्रिया करपाचो अधिकार आसलो तरी गांवांत प्रत्यक्षांत मात अशें घडिल्लें दिसना. जर पूत नासत तर धुवे बदला नात्यांतलो कोणय हें काम करता.

किरवड व्हरतना प्रेताची तकली घरावटेन करतात. क्रिया करपी मड्या मुखार वता. वतना तो एका बुडकुल्यांत उदक घालून तो बुडकुलो खांदार घेता आनी आक्ख्ये शेणीक उजो लावन ती शेणी हातांत धरता. ताणें 'बोडक्यांनी' आनी 'उक्त्या पांयांनी' चलपाचें आसता. मसणेंत चोरु व्हरतात. हो चोरु आंगणांत उजो करुन शिजयलो आसता.

आमोणें गांवांत आजुनय वेगळी अशी मसणण ना. मेल्ल्याक स्वताच्याच भाटांत जाळपाची चाल आसा. मुंडकार मेल्यार भाटकारान ताका आपल्या भाटांत जागो दिवपाची चाल आसा. सरणाखातीर लागपी आंब्याचें झाडय भाटकारच दिता.

लाकडां करपाचें काम गांवचेच आपखोशयेन करतात. सरणार दवरतना मड्याच्या आंगावेलीं वस्त्रां काडपाची चाल आसा. मड्याक आयिल्ले लोक सरणाक एक एक लाकूड घालतात. पूत जाल्ली आवय–बापूय दोगांय जितीं आसात, अशा मनशान दुसऱ्याच्या सरणाक लाकूड घालूंक जायना. तशेंच बायल गुरवार आसल्यार घोवान लाकूड घालपाचें नासता.

भटां–बामणांगेर गांवांत प्रेताक मंत्राग्नी दितात जाल्यार हेरांगेर मसणेंत भटाक व्हरपाची चाल ना. दादल्याक तकलेवाटेन जाल्यार बायलेक पांयांवाटेन अग्नी दितात.

मड्ड्याची तकली जळून कट्टें फुटिल्ल्याचो आवाज येतकच क्रिया करपी खांदार उदकान भरिल्लो बुडकुलो घेता आनी ताका एका फांतरान बुराक करता आनी मड्याच्या पांयांकडल्यान

सरणाचे उरफाटे तीन भोंवताडे काडटा. निमाण्या भोंवताड्याक मड्याचे तकलेकडेन उबो रावन खांदावयल्यान बुडकुलो सकयल वडोवन फोडटा आनी बरोबर व्हेल्लो चोरु सगळ्याक शिंपडायता. उपरांत फाटल्यान पळयनासतना घरा परतता, बरोबर गेल्ले हेर लोकय परततात.

भटां–बामणांगेर ह्या वेळार करपाच्यो थोड्यो वेगळयो विधी आसतात. तांगेर अशेतरेन बुडकुलो फोडल्या उपरांत, न्हावन परत येवन ज्या फांतरान बुडकुलो फोडिल्लो आसता, ताचेर 'तिळांजली' दितात आनी तो फांतोर एका वस्त्रांत गुंटलावन वेवस्थीत जाग्यार सांबाळून दवरतात. बाराव्या दिसा 'सपिंडी श्राध्द' करपाच्या वेळार ह्या फातराकडेन संबंदीत कांय विधी करतात.

मड्याक गेल्ल्याक मसण्णेंत 'सोरो–विडी' दितात. पाणट्यार न्हावन ते मेल्ल्याच्या घरा परते येतात. घराकडेन मडें दवरिल्ल्या जाग्यार वात पेटोवन दवरिल्ली आसता. तशेंच दारांत थंड उदकाचो एक कळसो भरून दवरतात आनी एके लाकडाचे बडयेक (बारीक वाटेन) उजो लावन दवरतात. मसण्णेंत गेल्ल्या लोकांनी मेल्ल्याच्या घरा येवन त्या कळश्यांतल्या उदकान घोट घेवंक जाय आनी जे विडी वोडटात, ताणीं ते उज्याचे बडयेर विडी पेटोवन आप–आपल्या घरा वचपाचें आसता.

आमोणें गांवांत पयलीं गावडी जमातीगेर प्रेत पुरपाची चाल आशिल्ली. प्रेत पुरलें जाल्यार चड शास्त्र–विधी करपाची गरज नासता फकत बाराव्या दिसा मड्याक आयिल्ल्या लोकांक आपोवन कितेंय 'हात उश्टावंक' (खावपाक) दिल्यार पुरो अशें मानतात. आजय आर्थिक नदरेन जांकां खर्च परवडना वा जांचो क्रिया चलोवपी कोण ना ते मड्याक अग्नी दिनात तर पुरतात. कांय धर्म–शास्त्राच्या पुस्तकांनी, मडें पुरल्यार लेगीत लासतकच करपाच्यासगळयो शास्त्र–विधी करच्यो पडटात अशी माहिती मेळटा, तरी आमोणें गांवांत त्यो केल्ल्यो दिसनात.

मडें लासता त्या दिसा जो कोण परकी मनीस मेल्ल्याच्या घरांत न्हिदता ताणें बारा दीस मेरेन तांगेर न्हिदूंक जाय अशें मानतात.

मडें व्हेल्या उपरांत घरांतल्या सगळयांनी न्हावपाक जाय. हून उदक न्हावन निमाणो थंड उदकाचो तांबयो माथ्यार ओत्तात. उपरांत रात्रींत उजो क़रून पेज शिजयतात. ही पेज शिजोवपाचें काम शेजारी–पाजारीच करतात. क्रिया–कर्म करप्यान बारा दिसमेरेन सवळें रावूंक जाय. मेल्ल्याच्या घरा वर्सभर गोड–गोडशें रांदनात.

सर्वसादारणपणान सगळयांक एकेच तरेन अग्नी दिता आसले तरी जे तरेन मरण आयलां ते प्रमाण मरणाच्या वेळार कांय खाशेल्यो क्रिया करपाच्यो आसातात. देखीक : बुडून, लासून, झाडावयल्यान पडून वा अपघातान मरत जाल्यार ताच्या आत्म्याक मुक्ती मेळची आनी ताणें लोकांक त्रास करचे न्हय म्हण 'नागबळी' नांवाचो एक विधी करतात. जे नागबळी करनात ते अशा वेळार पिठाचीं तीन बावलीं करून तांकां काजळ–कुकूम लावन तिनीकात्रीच्या वेळार गांवचे शिमेभायर न्हंयेंत व्हरून सोडटात. अशेतरेन वायट मरणान मेल्लो मनीस आपल्या फाटल्यान तीन खून व्हरता असो समज आसा. ते ताणें व्हरनये म्हण ताका मनशाच्या बदला 'पिठाचीं बावलीं' दितात. हें काम गांवाकाराच्या हातांतल्यान करून घेतात.

तीन वर्सा पुराय जावंचे पयलीं एकाद्रे भुरगें मरत जाल्यार ताका लासनात तर पुरतात.

सागकें भश्टांत गेल्ल्या भुरग्याक घराचे भितीईन [illegible] पुर्विल्ली [illegible].

बाळंत बायल मेली जाल्यार ती आपल्या भुरग्याक [illegible] परती [illegible] देखून तिका उगथी निदोवन लायतात. मसण्णेंतल्यान येतना [illegible] येतात. ती वाटेवयलें तो नामणो पुंजायत घरा येवपाक येता पूण [illegible] आनी ती घरा परती येवूंकच पावना असो समज आसा.

कशेय रितीन मरण येवूं, मडें व्हरतकच, तो जागो [illegible] वाश्याक एक सूत बांदून तें त्या जाग्यार सकयल सोडटात. त्या जाग्यार [illegible] पेटोवन दवरतात. सुतावयल्यान सकयल देवन मेल्ल्याचो आत्मो ती [illegible] असो समज आसा.

इकरा दिसांकडेन गेल्ल्याच्या घरांतल्यांचें सुतक सोपना आशिल्ल्यान त्या दिसा [illegible], [illegible] सगळ्याक पंचगव्य शिंपडावन आनी होम घालून अनवाळें करतात. [illegible] आसल्यार तांकां इकरा दिसांचें सुतक. लग्न जाल्ले धुवेक तिचो आवय, बापूय, [illegible] मेल्यार तीन दिसांचें सुतक.

बारा दीस मेरेन शेजाऱ्या पाजाऱ्यांनी आनी सोयऱ्यां-धायऱ्यांनी [illegible] आसा.

गांवांत धाव्या दिसा 'सारी' भरपाची चाल आसा. पूण मास्येवयल्यान उमास, [illegible] गिराण वचूंक जायना देखून ती, तीन, पांच आनी सात अशा दिसांचेर भरतात. [illegible] तें 'अस्थी' विसर्जीत करपाखातीर तीर्थक्षेत्रात वतात, नाजाल्यार एका नव्या [illegible] ती गांवचे न्हयेंत विसर्जीत करतात.

ह्या दिसा क्रिया करपी मनशावांगडा गांवकार आनी थाणगीय मसण्णेंत [illegible] 'खुंटां' आनी 'आडसरां' फोडटात. तीं उदारी पडूंक जाय, नाजाल्यार मेल्ल्याचे रागणें आसा अशें मानतात. उपरांत सांगणें करचें पडटा. मसण्णेंत ह्या वेळार दोन कोंबेय मारतात. मसण्णेंत ह्या वेळार म्हाल्लेय वता. क्रिया करपी म्हाल्याकडल्यान खाड–बोड तासून घेता. आनीक पूतय आसल्यार तेवूय आपले केस बापायक/आवयक ओंपतात. भटां–बामणांगेर ह्या वेळार पींड [15] दितात. जाल्यार हेरांगेर सरण लाशिल्ल्या जाग्यार निकटी शिताची उंडी करून दवरतात.

प्रेताच्या पयसुल्ल्या प्रवासाची तयारी म्हण पिंडाकडेन जोतीं, सत्री, भाकरी बी दवरपाची चाल आसा

पूर्विल्ल्या काळार जेन्ना लोक मातयेच्या आयदनांनी रांदताले तेन्ना तीं सगळीं आयदनां इकरा दिसांकडने पयस व्हरुन वडयताले आनी नवीं आयदनां वापरताले.

कांय जाणांगेर इकराव्या दिसा तर कांय जाणांगेर बाराव्या दिसा पिंडदान करतात. हे पिंडदान न्हंयेचे धडेर थंड वतावरणांत करचें अशें मानतात.

भटां–बामणांगेर बाराव्या दिसा 'सोपिंडी' (सपिंडी) श्राध्द करतात. हो विधी केल्या उपरांत मेल्ल्या मनशांचो आत्मो आपल्या पितरां म्हऱ्यांत पावता अशें मानतात. हेरांगेर मात सोपिंडी करनास्तना निकटो पिंडच दितात. जर खरो कावळो पिंडाक आपुडलो ना तर मेल्ल्याचें कितेंय तरी

रागणें आसा अशें समजून सागणें करतात. तेंवय करून जर कावळो आयलोना तर 'दर्भाचो कावळो' करून तो पिंडाक तेंकयतात.

बाराव्या दिसा भटाक दान दितात. बाराव्याचें जेवण रांदल्लीं आयदनां, क्रिया करतना न्हेशिल्लें वस्त, शिवाय दिवली, कोयती, तांबयो, तोप, ताट, शेंदरी, जोतें, हांथूण ह्या सारक्यो वस्ती भटाक दान दितात. सवायशीण बायल मेल्यार आयावपणाचो सगळो साज दिवपाचो आसता.

आपल्या जातींतलो आनी सादारणपणान मेल्ल्याच्या वयाचो अशा कोणायकय बाराव्या दिसा मेल्ल्याच्या नांवान 'उपाशी' दवरतात. आंकवार चली/चलो मेल्यार आंकवार चलीच/चलोच दवरतात. सवायशीण मेल्यार सवायशीणच दवरतात. रांड बायल मेल्यार मात दादल्याक दवरतात. उपाशी दवरिल्ल्या मनशाक त्या दिसा भरपूर खावपा–जेवपाक वाडटात. खास करून मेल्ल्याच्या आवडीचे जिनस करून वाडटात. नवें वस्त्र आनी हेर तांकता त्यो वस्ती दिवन ताचो भोवमान करतात. मड्याक आयिल्ल्या तितल्यांनीय बाराव्या दिसा 'हात उश्टावन' वचूंक जाय, नाजाल्यार मेल्लो मनीस तांच्या उपकारांत उरता असो समज आसा. बाराव्या दिसा अर्पण केल्लो पिंड एक तर गायेक खावपाक दितात नाजाल्यार न्हयेंत व्हरून सोडटात. गावडी जमातीगेर ह्या दिसा रातची 'बनवड' गावन घेवपाची चाल आसा.

बाराव्या दिसा हाडिल्लें जेवणाचें सगळें सामान त्याच दिसा सोपोवंक जाय.

मरतना , मेल्ल्याची दृश्टी जर घरार आसत जाल्यार थारावीक काळ मेरेन घरांत रावपाक जायना अशें मानतात. एक म्हयनो, पंदरा दीस, तीन म्हयने, पांच म्हयने, एक वर्स अशेतरेन 'घर सुट्टा'. जितले दीस घर सुट्टा तितले दीस मेरेन कोणेंच घरांत रावूंक जायना, घर बंद करुन दवरचें पडटा. उपरांत 'शांती' करुनच घरांत प्रवेश करपाचो आसता.

आज अशेतरेन कोण घर सोडनात. ज्या जाग्यार मेल्ल्याचो प्राण गेल्लो तोच जागो बंद करुन दवरतात.

क्रिया करपी मनीस वर्सभर भश्टांत उरता, ताच्यान वर्सभर कसलेंच देवकार्य वा लग्न–कार्य करुंक जायना अशें मानतात. मेल्ल्या मनशाचो जर पूत वा धूव लग्नाची आसत तर ताणीं वर्स जावंचे पयलीं लग्न जावूंक जाय नाजाल्यार तीन वर्सां मेरेन तांकां लग्न जावूंक मेळना. होच नेम एकाद्र्याची बायल मरत तर ताका दुसऱ्या लग्नाखातीर लागू जाता.

पूर्विल्ल्या काळार भटां–बामणांगेर, घोव मेल्यार बायलेक तिचे केंस तासून घेवन 'बोडकी' जावंचें पडटालें. अशे बोडके बायलेन मागीर बरें खावूंक वा न्हेसूंक जायनाशिल्लें. आंबट – तीख तिका वर्ज्य आशिल्लें. तिका कसलेच अळंकार घालूंक मेळनाशिल्लें. तिणें 'आलवण' न्हेसचें पडटालें.

सोडपां आनी अनसूत :

मेल्ल्या मनशाचो आत्मो भूतां–खेतांच्या मेळयाक सांपडिल्लो आसता, ताका त्या मेळयांतल्यान सोडोवन आपल्या पितराच्या सायेंत पावोवंक जाय असो समज आसा. जांगेर सोपिंडीश्राध्द करनात ते अशेतरेचीं 'सोडपां' , करतात.

भाद्रपद म्हयन्यांत पुनवेचे श्राद्ध पंदर्शीन केल्यार, [illegible] देवाच्या प्रसादावेर गेल्याच्या आत्म्याकडेन उल्लोवणी करून ताका 'श्रावर' [illegible] हाडटात. [illegible] हाडटना हो दाग बांटेर खंयच मकागल दवरूंक नायना. [illegible]

दाग हाडून घराकडेन तुळशीन दवरतात आनी [illegible] 'खण्टां' आनी 'आडसरां' फोडटात. कोवे मारतात. उपरांत पुनवेदिसा हो दाग [illegible] पुरसा म्हयांत दवरतात. बायट मरणान गेल्याक धर्गेन येनात, ताका [illegible] बी दवरतात. ह्या श्राध्दाच्या जेवणाक लोकांक आपयनात. पूण ह्या दिसा काकोळ [illegible]. एकाद्रो मनीस गेल्या उपरांत जी पयली भाद्रपद पुनव येता ते पुनवेक हे श्राध्द [illegible] हाका 'अनसूत वाडप' अशेंय म्हण्टात.

हे पुनवेक अनसूत वाडटा आशिल्ल्यान 'अनसूत पुनव' [illegible]

भरणीश्राध्द :

भाद्रपद वद्य पक्षांत ज्या दिसा भरणी नक्षत्र लागता त्या दिसा हे भरणीश्राध्द वाडटात. [illegible] जांगेर सोपिंडीश्राध्द करतात तांगेरच हें भरणीश्राध्द करतात.

ह्या दिसा गेल्ल्याक पिंडदान करून ताच्या नांवान कोणाकय उपाशी दवरून ताका भोजन करतात. बाराव्या सारक्यो भरणीश्राध्दाक हाडिल्ल्यो सगळ्यो वस्ती त्याच दिसा सोपोवंक जाय.

भरणीश्राध्दान क्रिया करपी अनवाळो जाता नाजाल्यार ताका वर्सश्राध्दमेरेन भज्यांत रावचें पडटा.

वर्सश्राध्द :

एकाद्रो मनीस मरतकच बरोबर एका वर्सान, तेच तिथीक श्राध्द करतात. ह्या दिसा भटाक आपोवन पिंडदान करतात. कावळ्याक काकोळ घालतात. मेल्ल्याच्या नांवान उपाशी दवरतात. वर्सश्राध्दाचें जेवण परकी ल्हान भुरग्यांनी आनी गुरवार बायलांनी जेवपाचें नासता. उपरांत दर वर्सा करतल्या श्राध्दाचें मात आयब नासता. वर्सश्राध्दाक हाडिल्ल्यो वस्ती, सगळ्यो त्याच दिसा सोपोवंक जाय.

म्हाळ वा म्हाळश्राध्द :

भाद्रपद वद्य पक्षाक 'पितृपक्ष' म्हण्टात. ह्या पितृपक्षांत म्हाळ वा म्हाळश्राध्द करपाचें आसता. ह्या दिसा जितले पितर आसतात तितल्यांच्याय नांवान श्राध्द वाडटात.

अशें सांगतात की पूर्विल्ल्या काळार वर्साची सुरवात आश्विन म्हयन्यान आनी अखेर भाद्रपदान जाताली. देखून वर्साचे अखेरेक सगळ्या पिरांक तृप्त करपाच्या हेतून हें श्राध्द वाडटाले. आज जरी वर्सांची अखेर फाल्गून म्हयन्यान जाता आसली तरी पूर्वील्ली भाद्रपद म्हयन्यांत श्राध्द वाडपाची चाल तशीच उरल्या.'[१६]

'म्हाळ' वा 'म्हाळश्राध्द' म्हळ्यार 'म्हालश्र...' सगळ्यांत मुखेल श्राध्द. एकाच वेळार सगळ्या पितरांक श्राध्द वाडूंक मेळटा म्हण हया श्राध्द... म्हाळश्राध्द म्हण्टात.

घरांतलो मुखेल पितर जे तिथीक मेल्लो तीच तीथ घेवन श्राध्द वाडटात. सगळ्या पितरांच्या नांवान पिंड दितात.

घरांत कितेंय अडचण आसत आनी श्राध्दाचें जेवण रांदप शक्य नासत जाल्यार 'आमान्य' (जेवणाचो शिधो) दिवन श्राध्द करतात. हाका धर्मशास्त्रांत 'आम श्राध्द' म्हण्टात.

'आमान्य' दिवन करपाच्या श्राध्दान जेवणासंबंदीत जे विधी आसतात ते विधी सोडून हेर सगळे विधी तशेच आसतात. मात सदांपरस चड शिधो दिवपाचो आसता. आमान्य दिवन केल्ल्या श्राध्दान पितर फावो तितले संतुश्ट जायनात असो समज आसा.

वयर सांगल्यांत तितल्याय श्राध्दांशिवाय पितरांच्या नांवान दर उमाशेक पुरसाक वाडी दाखोवन काकोळ घालतात. घरांतलो कोणय मेल्लो आसत जाल्यार मात वर्सश्राध्द मेरेन काकोळ घालपाची नासता.

टीप :

प्रकरण : ५ (अ)

१. मेथयो, तांदूळ, नाल्ल आनी गोड घालून केल्लें गोडशें. तें बारश्या उपरांत एक म्हयनो तरी बाळंटीक खावपाक दितात. हाच्या फाटल्यान एक वैजकी कारणय आसा. मेथयो हयो दूख काडपी जाल्यान त्यो पोटांत गेल्यार बाळंटीच्या आंगांतली दूख वता. गाय–म्हशींक लेगीत व्हितकच 'मेथयांची पेज' शिजोवन दितात.

२. भारतीय संस्कृति कोश, खंड – १, पृ. ६५८
३. भारतीय संस्कृतिकोश, खंड – १, पृ. ६५८
४. भारतीय संस्कृतिकोश, खंड – १, पृ. ६५८
५. भारतीय संस्कृतिकोश, खंड – १, पृ. ६५९
६. भारतीय संस्कृतिकोश, खंड – १, पृ. ६६०
७. भारतीय संस्कृतिकोश, खंड – १, पृ. ६६०
८. भारतीय संस्कृतिकोश, खंड – १, पृ. ६६०
९. भारतीय संस्कृतिकोश, खंड – १, पृ. ६६१
१०. भारतीय संस्कृतिकोश, खंड – १, पृ. ६६१
११. भारतीय संस्कृतिकोश, खंड – १, पृ. ६६२

१२. भारतीय संस्कृतिकोश, खंड - १, पृ. ६६२
१३. भारतीय संस्कृतिकोश, खंड - १, पृ. ६६२
१४. गायेचें शेण, मूत, दूद, धंय आनी तूप एकठाय करून 'गायत्री' मंत्र म्हणून तयार केल्लें मिश्रण
१५. शितांत काळयो तिळयो घाल्ले उदक घालप आनी वडे-खीर घालून बरें मळप, तशेंच वांटकुळीच उंडी करप. आजकाल पणज्याक केल्लो पीड मोठो करतात. पीड मळी पुरूंक जायना. कांय वेळा शितावदला तांदळांचे पीठ घेतात. गांवच्यान सगळें जेवण पिंडांत घालूंक जाय अशें शास्त्र सांगता तरी पुण सर्वसाधारणपणान पिंडाखातीर खीर आनी वडेच घेतात आनी ते मिळून मळनासतना उंडयेच्या वयरच दवरतात.
१६. श्राध्दप्रयोग : डॉ. सिध्देश्वरशास्त्री चित्राव, पृ. ७.

आ. किरिस्तांव समाज

किरिस्तांव धर्मांतल्या संस्कारांची थोडेभितर जाणविकाय अशी :

किरिस्तांव मनशाचे जिणेंत सात संस्कार येतात. तांकां 'सात साक्रामेंत' अशें म्हण्टात. ते फुडें दिल्यात ते प्रमाण आसात :

बालतीम (बातीस्म, पवित्रस्नान Baptismo)

पयलें बाळंतपण आवयगेर करपाची चाल आसा. सातव्या म्हयन्यार बऱ्याशा दिसा गुरवारणीक पांचवीं कांकणां घालतात आनी आवयगेर व्हरतात.

भुरग्याच्या जल्माची खबर धुवेल्या घोवाघरा 'गोड-कातली' धाडून कळोवपाची चाल आसा.

सव्या दिसा सटी आसता. ह्या दिसा तिळसांजा वैजिणीक 'नाल्ल-पड' दिवन धाडटात. तिणें वतना फाटीं वळून पळोवंक जायना. सबंद रात भुरग्याक सकयल दवरूंक जायना, तशेंच बाळंटिणीन ते राती भायर सरूंक जायना. सटयेराती ब्रह्मदेव भुरग्याचें नशीब बरयता अशी हिंदू लोकांमदीं जशी समजणी आसा तशीच किरिस्तांव लोकांमदींय आसा. मात ब्रह्मदेवाच्या बदला ते 'सर्गीतलो देव' अशें म्हण्टात. हे सटये विधीक इगर्जेचो संबंद ना.

बालतीम करचे पयलीं भुरगो खंयच्याय धर्मांत नासता, बालतीमा उपरांत तो किरिस्तांव धर्मांत येता. किरिस्तांव धर्मांत हो संस्कार केल्या शिवाय मुखावयले संस्कार करूंक मेळनात. देखून एकाद्रे आंतरधर्मीय काजार जावपाचें आसल्यार ते चलयेक/चल्याक पयलीं बालतीमाचो संस्कार करून किरिस्तांव धर्मांत येवंचें पडटा.

फाटल्या कांय वर्सांआदी बालतीम भुरग्याच्या जल्माच्या आठ दिसां उपरांत येवपी पयल्या आयताराक करताले त्या वेळार बालतीमाच्या सुवाळ्याक भुरग्याच्या आवयन हाजीर रावपाची गरज नासताली. भुरग्याची 'मोदोन' (Madrinha) 'पोदोन' (Padrihnho) आनी बापूय आसल्यार पुरो

आसतालें. आंताच्या इगर्जेच्या नव्या कायद्याप्रमाण भुरग्याच्या आवयची गरज लागता, देखून बालतीम एका म्हयन्या उपरांत म्हणजे बाळंटिणीच्यान भायर सरप शक्य जाल्या उपरांतच करतात.

इगर्जेंत पाद्री भुरग्याच्या आवय-बापायक आनी मोदोन-पोदोनीक बालतीमाचें म्हत्व आनी तांचें त्या भुरग्याविशीं आशिल्लें कर्तव्य ह्या विशीं जाणविकाय करून दिता. किरिस्तांव धर्मांत भुरग्याक अशेतरेन मोदोन-पोदोन आसपाचें कारण म्हळ्यार जर एकाद्रो वेळ त्या भुरग्याचो आवय-बापूय मरत जाल्यार तो भुरगो अनाथ जायना. ताका ल्हान-व्हड करपाची आनी बरें वळन लावन शिकप दिवपाची सगळी जबाबदारी मोदोन-पोदोनीचेर आसता. 'कुमारानय' (भुरग्यान) आपल्या मोदोन-पोदोनीक आवय-बापाय समान मानपाचें आसता. तांकां भुरगें-बाळ नासल्यार म्हातारपणांत तांचो आदार जावंचो पडटा. मोदोन-पोदोन दोगांय घोव-बायल आसूंकच जाय अशें ना, पूण आसल्यार उपकारता.

भुरग्याच्या आवय-बापायक आनी मोदोन-पोदोनीक तांची भुरग्यांविशींची कर्तव्यां समजायल्या उपरांत भुरग्याक ताचो आवय-बापूय घेवन उबो रावता. पाद्री मागीर भुरग्याच्या गालांचेर तीन थापटां मारून ताचे छातयेर, कपलार खुरसाची कुरु करता. अशें मानतात की भुरग्याच्या गालांचेर थापटां मारून पाद्री ताच्या आंगांतल्या वायटाक धांवडायता. उपरांत त्या भुरग्याक थोडें मीठ खावोवन परत ताच्या कपलार खुरीस तेंकयता. मागीर सगळीं जाणां बालतीम दिवपाचे कुडींत वतात. थंय पाद्री मोदोन-पोदोनीकडल्यान आवय-बापायचे मायेन भुरग्याचो सांबाळ करपाचें उतर घेता. मागीर भुरग्याचे छातयेक, भुजांक पवीत्र तेल लायता. ताच्या माथ्यार 'बेंजार' केल्लें 'आजमेंत' (पवीत्र उदक) शिंपडायता, ताका 'बेंतीन' घालता आनी 'देव तुजी राखण करतलो !' असो आशीर्वाद दिता.

उपरांत भुरग्याक नांव दवरतात. भुरग्याचो मोदोन वा पोदोन कोणय एकटो ताका आपलें नांव दवरुन इगर्जेंतल्या नोंदणी पुस्तकाचेर हस्ताक्षर करता. जो नांव दवरता ताणें इगर्जेंत दिमी मारुन 'वात' जळोवंची पडटा.

सायबिणीचीं वा संतांचीं नांवां दवरपाची गांवांत आजय चाल आसा. हालींच्या तेंपार एकाद्रें दुसरें नांव वेगळें आधुनीक पध्दतीचें आयकूंक मेळटा. घरांतल्या मेल्ल्यांचीं नांवां दवरपाचीय चाल आसा. एकापरस चड कितलींच नांवां दवरूं येतात. पूण नांवा फाटल्यान बापायलें नांव लावपाची चाल ना.

बालतीम जरी इगर्जेंत करपाचो संस्कार आसलो तरी एकाद्रे वेळ भुरगें मरणाचे धडेर आसत जाल्यार पाद्रीक घरा आपोवन ताका बालतीम दिवपाचें शास्त्र करतात. कसलेय परिस्थितींत तें भुरगें किरिस्तांव धर्मांतच मरुंक जाय असो समज आसा.

क्रिज्म (थिरावणेचो संस्कार, क्रिस्म, Crisma.)

बालतिमा नंतर किरिस्तांव धर्मांतल्या भुरग्याचे जिणेंत दुसरो संस्कार येता तो क्रिज्म. हो संस्कार भुरग्याक सात वर्सां पुराय जाल्या उपरांतच करतात.

गांवचे इगर्जेक बिस्प (Bishpo) केन्ना भेट दितलो हें पयलींच [illegible]. [illegible] बिस्पाची एके एके इगर्जेक फेरी जाता. तो येता ते ते इगर्जेच्या वाठारांतल्या सात वर्सां पुराय केल्ल्या भुरग्यांक रोजार-दोतोन म्हणजे किरिस्तांव धर्माची शिकवण दिवन तयार केल्लें आसता. तितलें गिन्यान आसल्या शिवाय तांकां क्रिज्म दिवंक मेळना. क्रिज्म सात वर्सां पुराय [illegible] बारा वर्सां सोंपचे पयलीं घेवपाचो आसता.

क्रिज्माच्या दिसा भुरग्याक धवेन कापड घालून 'आंजाभाइन' (देवदूत) [illegible]. आवय-बापायचें आनी हेर सगळ्या आण्ट्यांचे बेळमांव (Bensão) घेवन सकाळ कुडीन भुरग्याक इगर्जेंत व्हरतात. बिस्प धंय ताच्या माथ्यार आजमेन शिरडावन आनी कपलार खुरयेची खूण करून क्रिज्म संस्कार पुराय करता. ह्या संस्कारान भुरग्याक पवित्र आत्म्याचो आशीर्वाद मेळटा अशी समजूत आसा. ह्या संस्कारान शाणपण, विवेक, गिन्यान, बुध्दी, बळ, दया आनी भक्ती ह्या सात वरांसयत पवित्र आत्मो भुरग्याचे कुडींत प्रवेश करता अशें मानतात.

क्रिज्माचो संस्कार हो सामुदायीक संस्कार. एकाबरोबर इगर्जेंत जायत्या भुरग्यांक क्रिज्म दितात. चल्यांक तशेंच चलयांकय क्रिज्म दिवपाचो आसता.

कोमुन्यांव (मिसाची भेट, Comunhão) :

कोमुन्यांवाचो संस्कार भुरग्याक आठ वर्सां पुराय जाल्या उपरांत केन्नाय करूंक जाता. आयताराच्या मिसा वेळार हो संस्कार करतात. क्रिज्मा दिसा भुरग्याक जशें भेस करतात तशेंच ह्या वेळारय करतात.

पाद्री सोन्यांत बुडयल्लो 'पार्तिकुलांव' (पाव) भुरग्याचे जिबेर दवरता. भुरग्यान 'आमेन' म्हण तो पाव दांत लायनासतना गिळूंक जाय. पार्तिकुलांव म्हणजे जेजू क्रिस्ताचें 'अंग' आनी सोरो म्हणजे ताचें 'रगत' अशें मानतात. ह्या संस्कारान जेजू क्रिस्त भुरग्याचे कुडींत प्रवेश करता असो समज आसा.

ह्या संस्कारा उपरांत दर आयताराच्या आनी फेस्ताच्या मिसा उपरांत तांणें पाद्रीकडल्यान कोमुन्यांव घेवपाचो आसता.

कुमसार (प्रायश्चित संस्कार Confessão)

दिसपट्टे जिणेंत मनशाच्या हातांतल्यान ल्हान–व्हड जायते गुन्यांव घडटात. कितलेंय सांबाळ्ळें तरी नकळटना तो पातकाच्या सुवादीन जाता. ह्या पातकांक आनी गुन्यांवांक लागून देवाचो आपल्याचेर आशिल्लो मोग कमी जाता असो किरिस्तांव समाजांतल्या लोकांचो समज आसा. ह्या पातकांतल्यान मुक्त जावपाखातीर आनी देवाचो आपल्याचेर पयलीं इतलोच मोग उरपाखातीर ते पाद्री म्हन्यांत 'कुमसार' जातात. म्हळ्यार आपल्या हातांतल्यान घडिल्ल्या पातकांचो उल्लेख

करून ते देवाकडेन भोगशिणी मागतात. कुमसार जाल्या उपरांत तो मनीस देवाच्या मोगाक पात्र जाता आनी हातांतल्यान घडिल्लें पातक धुवन तो पयलीं इतकोच पवित्र नितळ जाता अशें मानतात.

पयले फावट एकाद्रो किरिस्तांव कुमसार जाता तेन्ना तो संस्कार थारता. वयाच्या आठव्या वर्सा उपरांत हो संस्कार करतात. उपरांत जेन्ना जेन्ना आपल्या हातांतल्यान पातक घडलां अशें ताका जाणवता तेन्ना तेन्ना ताणें कुमसार जावचें पडटा.

कुमसार जावप्यान आपल्या हातांतल्यान घडिल्ल्या पातकाविशीं पिकासांव करून परतून केन्नाच असलें पातक करचोना असो मनांत निश्चेव करून इगर्जेंत वचपाचें असता. कुमसार जावपाखातीर इगर्जेंत एक खास जागो आसता. थंय एक 'कुमसोतोर' आसता. कुमसोतोराचे एके बाजूक पाद्री रावता तर दुसरे बाजूक कुमसार जावपी रावता. कुमसोतोराक एक ल्हान जनेल आसता. ह्या जनेलांत तोंड घालून कुमसार जावपी उलयता तर दुसऱ्या बाजून त्या जनेलाक कान लावन पाद्री आयकता, मात पाद्रीक त्या मनशाचें तोंड दिसना. पाद्रीक प्रत्येकाचो घूट सांबाळून दवरपाचो सोपूत आसता.

सोतेसांव (पिडेस्तांची माखणी Extrema Uncção) :

एकाद्रो मनीस मरतलो अशी सामकी खात्री जाली म्हण्टकच पाद्रीक आपोवन हाडटात. पाद्री ताच्या कपलाक, दोळ्यांक, नाकाक, खुरसाची कुरु करून ताचेर पवित्र उदक शिंपडायता. ताच्या आत्म्याक शांती मेळूं म्हण मागता. जर ताका कुमसार जावपाची इत्सा आसत तर कुमसार करता.

मेल्या उपरांत प्रेत 'काशांवांत' घालून व्हरतात. आपले तांकीप्रमाण हो काशांव उंची–कमी असो हाडटात. काशांव काळ्या रंगाचो आसता. मात आंकवार मेल्यार धव्या रंगाचो काशांव हाडटात. प्रेताच्या आंगारय धव्याच रंगाचे कपडे घालतात. आंकवाराचें मरण गडगडाटान करतात. बऱ्यापैकी मुज्ग हाडटात. मरणाक येवप्याक बरें जेवण आनी सोरो वांट्टात.

चोवीस वरां जाल्या शिवाय 'इंतेर' करूंक मेळना. पाचारपाक येवपी लोकांनीं मेल्ल्याच्या घरच्यांक खेम दिवपाची चाल आसा.

मेल्ल्या मनशाची बायल जिती आसत तर मडें व्हरचे पयलीं तिका तांबडें कापड न्हेसयतात. तांबडीं कांकणां घालतात. उपरांत मडें भायर काडपाच्या वेळार हो सगळो साज काडून मड्यार वडयतात. 'उतराची–मुदी' ह्या वेळार काडटात. त्या दिसाच्यान तिणें तांबडो रंग वापरपाचो नासता. निळ्या–काळ्या रंगाचे कपडे वापरूंक जाय आनी कानांतलीं घालूंक जायनात.

मेल्ल्या मनशाक पूत आसत तर ताणें काशांवाक पयलो खांद मारुंक जाय. उपरांत इगर्जेचे 'इरमांव' खांद मारतात. सगळ्यांत मुखार पाद्री, फाटल्यान काशांव, ते फाटल्यान सगळे इरमांव, उपरांत हेर लोक एके वळीन वतात. इरमांवांच्या आंगार ते इगर्जेप्रमाण थारावीक रंगाची 'ओपमूस' आसता. मरणाक वचपी सगळे जाण दुखाच्या रंगाचे म्हणजे काळे वा धवे कपडे घालतात. इंतेराक बायलो आनी भुरग्यांनी वचपाची चाल आसा.

घरांतल्यान भायर काडून मडें पयलीं इगर्जेंत व्हरतात. थंय मेल्ल्याच्या आत्म्याक शांती मेळपाखातीर 'मीस' जाता. उपरांत मडें सिमितेरींत (Cimiterio) व्हरतात. सिमितेरींत पयलीच फोंड मारून तयार दवरिल्लो आसता. पाद्री त्या फोंडार आशिर्वाद मारून तो बेसांव करता. मागीर काफीन फोंडांत दवरून ताचेर वयर मूठभर माती घालतात. उपरांत घरचे मातीं घालतात. फोंडार मातीं माती घालून जाली तशी वयर खुरीस लायतात. ह्या खुरसार मेल्ल्याचें नांव, तारीख बरयल्ली आसा.

मरणा दिसा मीस केल्लें नासत तर सात दिसांकडेन मीस करतात. उपरांत म्हयन्याचें आनी वर्साचें मीस करतात. इंतेराक आयिल्ल्यान वर्साच्या मिसा दिसा मेल्ल्याच्या घरकडेन येवन [illegible] पूण खावन वचपाचें आसता.

सामको लागीचो कोणय मरत तर एक वर्सभर काळ्या रंगाचे कपडे वापरतात आनी बायलो कांकणां लेगीत काळींच घालतात. वर्सा उपरांत थोडो वेळ मातशे निळसर रंगाचे कपडे वापरुंक जाय. जर गेल्लो मनीस मात्सो पयसुल्ल्या नात्यांतलो आसत तर काळ्या रंगा बदला निळसार रंगाचे कपडे वापरपाचे आसतात. कांय जाण फकत दुखेची काळी 'फीत' आंगार लायतात.

दुखांत काजारां बी थारायनात मात पयलीं तारीख बी थारायिल्ली आसत जाल्यार कांय झगझग करनासतना तें करतात.

ओर्दिनेसांव (Ordenação) :

पाद्री/माद्री जावपाखातीर जो धार्मिक संस्कार करतात ताका ओर्दिनेसांव म्हण्टात. हो संस्कार खूब थोड्यांचे म्हणजे जांकां पाद्री/माद्री जावपाचें आसता आनी काजार जावपाचें नासता तांचेच जिणेंत येता. हो संस्कार मोठ्या दबाज्यान करतात.

पाद्री जावपाच्या संस्काराक 'पाद्रीची माखणी, 'याज्ञीकी माखणी' वा 'याज्ञीकी संस्कार' अशें म्हण्टात जाल्यार माद्री जावपाच्या संस्काराक 'माद्रीपणाचो संस्कार' वा 'निमाणो करार' (Final Commitment) अशें म्हण्टात.

पाद्री वा माद्रीपणाचें शिकप दिवपी गोंयांत तशेच गोंयभायरय वेग–वेगळे 'मठ' (संस्था) आसात. 'डियोसेशन सोसायटी' (Diocesan Society) सारकी पाद्रीपणाचें शिकप दिवपी आनी नाझारेत (Nazareth) संस्थे सारकी माद्रीपणाचे शिकप दिवपी संस्था गोंयातं आसात. अठरा वर्सां पुराय जाल्ल्या ज्या भुरग्याक पाद्री/माद्री जावपाची स्वताची इत्सा आसता, तें भुरगें आपल्याक खोशी आता ते संस्थेंत प्रवेश घेता. प्रशिक्षणाच्या काळांत ताका ते ते संस्थेच्या आवारांत रावन शिकप घेवचें लागता. सुटयेच्या कांय थारावीक काळांतच ताका घरा येवंक मेळटा. प्रशिक्षणाच्या काळांत ताचो खर्च ताच्या आवय–बापायन उखलचो पडटा. पूण एकाद्र्या भुरग्याक पाद्री/माद्री जावपाची इत्सा आसता पूण ताचे आवय–बापूय आर्थिक नदरेन दुबळे आसून तांकां तें परवडत नासल्यार ताची शिकपाची तजवीज करपाची सोयय संस्थेकडेन आसता.

पाद्रीपणाच्या/माद्रीपणाच्या प्रशिक्षणाचो काळ सादारणपणान णव वर्सांचो आसता. प्रशिक्षण पुराय जालें तशें पाद्रीक 'माखणी' संस्कार करुन आनी माद्रीक 'निमाणो करार' करून संस्था तांची फावो त्या जाग्यांनी नेमणूक करता. पाद्रीपणाचें/माद्रीपणाचें शिकप घेतना वांगडा कोणाकय हेर क्षेत्रांतलें शिकप घेवपाची इत्सा आसत जाल्यार संस्था ताका तशी सवलत दिता.

पाद्री/माद्रीपणाच्या शिकपाचो एक एक पांवडो (वर्ग) आसता. प्रत्येक पांवड्याचो काळ थारायिल्लो आसता. प्रशिक्षणाच्या पयल्या दिसा, भुरग्याच्या आवय–बापायचे हजेरेंत एक ल्हानसोच सुवाळो संस्थेच्या आवाठांत घडोवन हाडटात.

माखणेचो संस्कार चड करून आपले गांवचे इगर्जेंत करतात. हया सुवाळ्या वेळावयलो सगळो खर्च आवय–बापायन करपाचो आसता. खूब जाण हो दबाजो मोठ्या गडगडाटान करतात.

पाद्री/माद्री जावप्यान ह्या संस्कारा वेळार सगळो भेस धव्याच रंगाचो करपाचो आसता.

'पाद्रीची माखणी' ह्या संस्काराची थोडेभितर माहिती अशी :

मिरवणुकेन भिस्माक आनी नव्या पाद्रीक मंडपांत घेवन येतात. थंय हेर पाद्री आनी सोयरे–धायरे जमिल्ले आसतात, ते उबे रावन तांकां येवकार दितात. भिस्म आनी नवो पाद्री वेदयेर चडटकच देवाक वाखाणून गायन जाता, देवाचें वाचप जाता.

मुखेल संस्काराक सुरवात करचे पयलीं सगळ्या सभेसामखार भिस्म प्रशिक्षण संस्थेच्या मुखेल्याक (रेक्टर), ''नवो पाद्री, माखणेच्या संस्काराक फावो तसो प्रशिक्षीत आसा काय ?'' म्हण प्रश्न विचारता. ताणें, ''हय'' म्हळें तशें, 'देवाचे व्हड उपकार !'' अशें म्हुणून मुखावयले विधीक सुरवात करता. भिस्म कांय वेळ 'प्रवचन' करता आनी मागीर नवो पाद्री ताका देवान लोकांचे सेवेखातीर धाडपाचें थारायलां अशें 'शूभवर्तमान' दिता. ह्यावेळार, हया संस्काराखातीर नव्या पाद्रीन वेंचून काडिल्ल्या विशयाची लोकांक समजावणी करून दितात. ''जिवितांतल्यान जेजूक गवाय दिवंक'' वा ''जेजूचो परमळ सगळ्याक शिंपडावंक'' अशेतरेचे आपल्याक भावता तसले विशय घेतात. हो विशय सभेमुखार बरोवनय दवरिल्लो आसता. माद्रीपणाच्या संस्कारावेळारय अशेतरेन विशय घेतात.

नव्या विशयाची लोकांक समजावणी दिली तसो भिस्म नव्या पाद्रीक सभेसामखार चार प्रश्न विचारता. पाद्रीपणाचो धर्म आपखोशयेन स्वीकारला काय ना ? आनी तो मुखार बरेतरेन पाळटलो काय ना ? हो सारांश ह्या प्रश्नांनी भरिल्लो आसता. ह्या वेळार नवो पाद्री ''हय'' असो जबाब दिता. ही 'तपासणी' आनी ''जबाब'' जाल्या उपरांत लादीन जाता. तपासणेच्या वेळार नव्या पाद्रीन 'सरपट पडपाचें' (जमनीर उमथें न्हिदपाचें) आसता. अशेतरेन न्हिदून तो जगांतल्या भौतीक सुखांक फाट करता आनी जेजूक फुडो करता अशें मानतात.

लादीन जातकच भिस्म नव्या पाद्रीच्या माथ्यार हात दवरुन 'गुप्ती मागणी' करता. वेदयेर हाजीर आशिल्ले हेर पाद्रीय तशीच मागणी करतात. उपरांत सगळे एक जावन 'खेरीत मागणें' करतात.

नव्या पाद्रीक 'पाद्रीपणाचें' वा 'याज्ञीकपणाचें' न्हेसप घालतात. हें काम चड करून गांवचे

इगर्जेचो पाद्री करता. न्हेसप करून नव्या पाद्रीक वेदयेर व्हरतात. थंय भिस्प ताचे हात 'तेलान माखता'. हया दिसाची सामणाची याद उरंक ही माखणी आसता. तेलान माखिल्ले ताचे हे हात ताच्या आवयन -बापायन पुसपाचे आसतात. हया वेळार पवित्र आत्म्याच्या नांवान गायन जाता.

माखणे उपरांत भिस्प नव्या पाद्रीक एक 'काल्य' भेट दिता, ''लोकांनी हाडलेलें दान तूं आनी तांकां सोरो आनी उंडयाचें दान दी'' म्हण सांगता. ''खुरसार क्रिस्तान [illegible] तुजी जीण जावूं आनी ती सदांकाळ दुसऱ्याच्या उपेगाक पडूं'' अशी आर्शीर्वाद दिवन ताका खेग दिता. उपरांत वेदयेर हाजीर आशिल्ले हेर पाद्री ताका खेग दितात आनी मागीर सगळी घरचीं ताका खेग दितात. नव्या पाद्रीक ताच्या घरच्यांनी कांय भेटवणी दिवपाचीय चाल आसा.

हया उपरांत देवाचें स्तुतीगायन जावन नवो पाद्री पयले फावट 'मीस' (प्रवचन) सांगता. जमिल्ल्यांक 'क्रिस्त-प्रसाद' (उंडो-सोरो) दितात.

हया नंतर नव्या पाद्रीक आपल्या काळजांतले उमाळे व्यक्त करपाचे आसल्यार मुद्दल आसता. शेवटाक ताच्या हातांचो 'उगांव' घेवन सुवाळो सोपता. नव्या पाद्रीच्या आवय-बापायकय सुवाळ्याक आयिल्ले लोक खेग दितात.

सुवाळ्याक आयिल्ल्या लोकांक खावपा-पिवपाक वांटपाचीय चाल आसा. हो सुवाळो दिसाचो आसता आनी तो सकाळींच सुरु जाता.

माद्रीपणाच्या संस्काराची थोडेभितर माहिती अशी :

कांय गजाली सोडल्यो जाल्यार पाद्री आनी माद्रीपणाच्या संस्कारांत खूबशें साम्य आसा.

मिरवणुकेन भिस्माक आनी नवे माद्रीक वेदयेर घेवन येतात. येतना नवी माद्री आपल्या हाताच्या पोशांत 'फुलांच्यो पाकळ्यो आनी पेट्ट्यो वाती' घेवन येता. हयो फुलांच्यो पाकळ्यो ती आपल्या 'वडील मातेच्या' (संस्थेची मुखेल माद्री) पांयार ओंपता.

उपरांत देवाच्या पुस्तकाचें वाचप जाता, स्तूती गीतांचें गायन जाता. मागीर भिस्प दिक्षा दिवपाखातीर नवी माद्री पुराय प्रशिक्षीत आसा काय हें वडीलमातेक विचारता. तिचेकडल्यान अपेक्षीत 'जबाब' मेळ्ळो म्हण्टकच कांय वेळ 'प्रवचन' करून जमिल्ल्यांक नवे माद्रीन वेंचून काडिल्लो विशय सांगून शूभवर्तमान दिता.

मागीर नवे माद्रीची तपासणी जाता. तपासणे वेळार तिणें 'सरपट पडपाचें' आसता. फावो ते जबाब मेळ्ळे म्हण्टकच देवाची प्रार्थना म्हणजे 'लादीन' जाता. नवी माद्री आपणें कागदार बरयल्लो आपलो जबाब वा 'सोपूत' सभेमुखार वाचून ताचेर आपलें हस्ताक्षर करून तो कागद वडीलमातेकडेन दिता.

उपरांत भिस्म, माद्रीपणाची कुरु म्हण तिच्या उजव्या हाताच्या मदल्या बोटाक 'मुद्दी' घालता आनी धव्या फुलांचो 'कुरोव' तिच्या माथ्यार दवरता, आजमेंत मारून तिका आर्शीर्वाद दिता. ''आजपासून तूं क्रिस्तरायाची पोतीण जाल्या, तुज्या पोतीकडेन तूं विस्वासान राव'' अशी तिका समजावणी दिता.

ह्यावेळार वडीलमाता, नवी माद्री आजपासून आपले संस्थेची वांगडी जाल्या आनी संस्थेचे दर गिरेस्तकायेत तिका वांटो आसा अशें जाहीर करता.

नवी माद्री ह्यावेळार आपल्याक सगळ्यांपरस चड प्रिय आशिल्ल्या वस्तीची भिस्माक भेटवण दिता.

भेटवणी उपरांत 'कोमुन्यांव' जाता. नवे माद्रीक आनी सुवाळ्याक जमिल्ल्या लोकांक भिस्म आनी हेर पाद्री 'क्रिस्तप्रसाद' दितात.

भिस्मान केल्ल्या निरोपाच्या उलोवपान सुवाळो सोंपता. वतना सुवाळ्याक आयिल्ले लोक नव्या माद्रीच्या हाताचो 'उमांव' घेतात आनी तिच्या घरच्यांक खेम दितात.

काजार (लग्न, Casar) :

आज जे तरेन हिंदूमदीं धार्मिक पध्दतीन लग्न करचे पयलीं कायदेशीर पध्दतीन नोंदणी करून लग्न जावंचें पडटा. तेच पध्दतीन किरिस्तांवांमदींय काजार जावंचे पयलीं सिविल रजिस्टार ऑफिसांत ताची नोंदणी करची पडटा.

किरिस्तांव धर्मांत एके भावकेमदीं लग्नां जायनात, तशेंच 'काडीगोड' किरिस्तांव धर्म मानिना. जावं दादल्याक जावं बायलेक एकेच फावट लग्न जावूक मेळटा.

व्हंकल–न्हवरो एकमेकांक आनी घरच्यांक पसंत जालीं म्हण्टकच आप–आपल्या इगर्जेच्या पाद्रींक कळीत करतात. पाद्री थंय मागीर जल्माचे आनी बालतिमाचे सगळे दाखले सोदून काडून, व्हंकले–न्हवऱ्याच्या वयाची आनी हेर जुळवा–जुळव जाता जाल्यार पळयता. व्हंकल न्हवऱ्यापरस व्हड आसल्यार जाता पूण सर्वसादारणपणान व्हंकल न्हवऱ्यापसरस ल्हानच सोदतात.

दोनय वाटेन समाधानकारक उतर मेळ्ळें जाल्यार काजाराचें फुडलें सोपण चडटात. काजाराचें फुडलें सोपण म्हळ्यार 'चीट वाचप'. काजारापयलीं, फाटोफाट येवपी तीन आयतारांक मीस जाल्या उपरांत इगर्जेचो पाद्री काजाराची खबर सगळ्यांक कळीत करता. व्हंकले–न्हवऱ्याचो आवय–बापूय, नांव–गांव, वेवसाय–धंदो, इतलेंच न्हय तर कितेंय शारीरीक व्यंग आसल्यार लेगीत ताचेर माहिती दिता. जर त्या काजाराक कोणाचो विरोध आसल्यार तशें सांगचें म्हण सांगता. हाका 'चीट वाचप' म्हण्टात. दोन चीटयो वाच मेरेन जर कोणाचोच कांयच विरोध कळ्ळो ना जाल्यार तिसऱ्या आयताराक काजार थारिल्ल्याचें जाहीर करतात.

ही काजाराची पूर्वतयारी. उपरांत काजाराच्या गुखेल विधीक सुरवात जाता.

१. चुडो

काजाराक सुमार म्हयनो आसा म्हळ्यार व्हंकलेक चुडो घालपाची चाल आसा. चुडो मामा घालता. निमाणे चिटी दिसा भाचयेक आपल्यागेर व्हरता आनी थंय घराकडेन वळेराक खास

आपोवन चुडो घालता. तांबडीं, हळदुवीं, पांचवीं, धवीं आनी हेर [illegible] एक-एक डजन कांकणां व्हंकलेच्या हातांक घालतात.

व्हंकले वांगडा हेर चलयांक आनी बायलांकय कांकणां घालपाची [illegible] कांकणां घाल्ल्यो हेर बायलो, वळेरा मुखार दवरिल्ल्या ताटांत पयशे घालतात. [illegible] वळेराचो विडो धारिल्लो आसता तरी हे वेगळे पयशे ताका भेट म्हूण दितात.

गामागेर व्हंकलेक 'पोरकुंनाचें' जेवण आसता. [illegible] 'दर्जी' [illegible] आसा. मामान पोरकुंनाक केल्ल्या उपरांत व्हंकलेक हेर सोयरीं-धायरीं आपोवन व्हरतात

२. साडो कापप

पयलींच्या सारक्यो आज व्हंकलो काजाराक साडी न्हेसनात तरी व्हिस्तीद घालतात. [illegible] खाशेलो व्हिस्तीद म्हणजे 'साडो' (पयली साडी). हो शिंवपाखातीर कुडट कापपाचो एक सुवाळो जाता.

साडो न्हवऱ्यान काडपाचो आसता. साड्याचो रंग तांबसो वा गुलाबी आसूंक जाय. न्हवऱ्या घरा, साडो कापपाच्या दिसा व्हंकलेक आपोवन व्हरतात.

एके शेंदरेर जेजूची मूर्त दवरतात, थंय वाती पेटयतात. उपरांत दर्जी साड्याच्या कपड्याचे दोन तिरांटे कापून जेजूचे मुर्तेसामखार खुरसाची आकृती करता. व्हंकले सयत जमिल्ले लोक देवाक 'नमन' करतात. फोग जळटात, गोड-गोडशें वांट्टात. उपरांत व्हंकलेचे माप घेवन दर्जी [illegible] ते मोदीन व्हिस्तीद शिंवता.

रेस्पेराच्या वेळार घालपाच्या व्हंकलेच्या धव्या व्हिस्तीदाचें लुगट्य शिंवपाखातीर हयाच वेळार कापतात. न्हवऱ्याच्या सुटाचें आनी धेड्या-धेडयांच्या कपड्यांचीं लुगटांय हयाच दिसा कापतात.

व्हंकल आनी जमिल्ले लोक हया वेळार जेजूचे मुर्तेमुखार पयशे दवरतात, ते दर्जीन व्हरपाचे आसतात.

३. दोश (Doce) करप

काजाराच्या कांय दीस आदी काजाराखातीर गोड-खाण म्हणजे 'दोश' करपाचो सुवाळो जाता. चण्यांदाळ, साकर आनी नाल्ल घालून केल्लीं कापां काजाराखातीर खाशेलीं दोश आसता.

बरोसो दीस पळोवन दोश करतात.

४. दळप

काजाराच्या जेवणाक लागपी पीठ बरोसो वेळ पळोवन सवायशिणीं सुवाळ्यान दळटात.

दात्यांत पयलो घांस व्हंकलेन/न्हवऱ्यान घालपाचो आसता.

५. भात उकडप

काजाराच्या जेवणाक लागपी तांदूळ पयलीं घरचे घरा करताले. तेन्ना ते तांदूळ करपाखातीर भातय विधीपूर्वक उकडटाले. शेजारा–पाजाराच्या आनी सोयऱ्यांच्या सवाशिणींक भात उकडपाखातीर मुद्दाम आपोवणें दिताले.

६. भिकऱ्यां–जेवण

काजाराच्या पयलीं 'भिकऱ्यां–जेवण' घालपाचें आसता. चड करुन हें जेवण काजाराच्या आदले दिसा करतात. घरचे वंशांवळींतले जे कोण मेल्यांत, तांची याद करून त्या दिसा कोणाकय गोड–गोडशाचें जेवण रांदून वाडटात. जांकां मेल्ल्याच्या नांवान दवरतात तांकां त्या दिसा मानान व्हरून जेवपाक बसयतात. दादल्यांक विडी–शिगार दितात जाल्यार बायलांच्या माथ्यार तेल घालतात.

ह्या दिसा गांवच्या आनी गांवाभायल्याय चडांत–चड भिकाऱ्यांक जेवपाक आपोवन तांकां धादोशी करून धाडटात.

७. केंस–कापणी

रेस्पेराच्या आदल्या दिसा, न्हवऱ्याघरा केंस कापपाचो विधी जातात. म्हाल्याक खास घरा आपयात. ताचो मान–पान करतात.

८. रोस–लावप

काजाराच्या पयलीं व्हंकले–न्हंवऱ्यागेर, दोगांयगेरय 'रोस लावपाचो' सुवाळो जाता. 'नाल्लाचो रोस (दूद)' काडून, सवायशिणी 'येर्स' म्हणत तो व्हंकलेक/न्हवऱ्याक लायतात.

(कॅप्यां) पॉडलें चुडीत
आनी (कुंकळ्ळे) व्होयलें वोडीत
आज नशीबांतुले घोडीत
(मारीया) धूव म्हुगो आमची.

वा

बाराडेच्या पुरसा
सकल बयर पांवले
चडोंन येयल्यार आंवले
(फुलामॅन) तुगे काजराचे.

हे व्हंकलेक म्हणपाचे येर्श (Versos) गांवांत सुवत [illegible] हांतलीं गांवचीं आनी गनशांचीं नांवां बदलतात.

९. दोत वा देणें

दोत वा देण्याक किरिस्तांवांच्या काजाराक खाशेलें म्हत्व आसा. [illegible] तेच दिसा दोत धारायतात. भांगर-शिंगर, कपडो-लत्तो, आयदन-भांडीं आनी हेर [illegible] वस्ती न्हवरेकार व्हंकलकारांकडेन मागतात. कांय वेळा भांगराचो [illegible] मागतात. हया पयशांनी मागीर भांगराचे अळंकार घडोवन, रेस्पेरादिसा व्हंकलेक [illegible] ते घेवन येतात.

दोत न्हवऱ्यागेर धाडून दिवंचे आदी व्हंकले घराकडेन मांडून दवरतात. दोत पळोवंक सोयरीं-धायरीं मुद्दाम येतात. दोत घेवन व्हंकलेचो भाव वता. पयलींच्या तेंपार तेन्ना मोटार-गाडयो नाशिल्ल्यो तेन्ना भाडेलांच्या माथ्यार दिवन ही दोत व्हरताले. दोत घेवन [illegible] मान-पान करपाची चाल आसा.

पयलींच्या तेंपार काजाराचें आपोवणें तोंडानच दिताले. आज 'छापील-कार्डां' वांटून आमत्रंण दितात. मात गांवांत आजुनय तोंडानच आमंत्रण दिवपाची चाल आसा.

१०. रेस्पेर

काजाराचो मुखेल विधी म्हळ्यार 'रेस्पेर'. रेस्पेर जालें म्हण्टकच व्हंकल-न्हवरे धर्मशास्त्रान एकमेकांचीं जातात. रेस्पेर न्हवऱ्या गांवचे इगर्जेंत जाता.

रेस्पेरा दिसा, न्हवऱ्याची भयण व्हंकलेक न्हेसोवपाखातीर येता. पांयांच्या नाकटांमेरेन ते माथ्याच्या केंसांमेरेन लागपी सगळो शिरंगार तिणें बरोबर व्हरपाचो आसता. पांयांमेरेन लळपी लांब धवो व्हिस्तीद, माथ्याच्या केंसामेरेन लागपी सगळो शिरंगार तिणें बरोबर व्हरपाचो आसता. पायांमेरेन लळपी लांब धवो व्हिस्तीद. माथ्याक धवो कुरोव, हाताक धवींच लुवां. पायांक धवेच मोचे, धवे मेय, धवीच पर्स, धवोच लेंस, धवीं अंतवस्त्रां, धवी वोल (वोडणी) असो व्हंकलेचो पुराय

भेसच धवो आसता.

व्हंकलेबरोबर एक 'धेडी' आनी दोग–तीग जाण 'आंज' (ल्हान चलयो) आसतात. तांकां गुलाबी रंगाचो भेस करतात. धेडी जावपाचो मान व्हंकलेचे आंकवार भयणीक तसोच धेडो जावपाचो अधिकार न्हवऱ्याच्या आंकवार भावाक.

धेड्या–धेडये शिवाय, न्हवऱ्यागेर 'करवलो' आनी व्हंकलेगेर 'करवली' आसता. काजाराच्या जेवणाक लागपी तांदूळ विधीपूर्वक धुवपाचे आसतात, ते काडून दिवप वा जेवणाक लागपी 'दूदी' हुमऱ्यार धरून फोडून दिवप हीं कामां करवली–करवल्यान करपाचीं आसतात. शिवाय आयिल्ल्या गेल्ल्यांची उठबस करप, कितें जाय नाका हाचेर लक्ष दवरप ही जापसालदारकी तांची आसता.

आप–आपल्या घरांतल्या जाण्टेल्यांचें 'बेसांव' (Bencão) घेवन व्हंकल–न्हवरो इगर्जेंत वतात.

व्हंकले व्हंकले बाये
तेनसांव हें घर मतींत
मांय–पायचें घे गो बेळसांव.

वा

न्हवऱ्या न्हवऱ्या बाबा
तेनसांव हें घर मतींत
भावा–व्हनयेचें घे रे बेळसांव

अशेतरेन बेळसांव दितल्या सगळ्यांचीं नांवां घेवन येर्स गायतात.

आमोणें गांवांत रेस्पेराक वतना गांवच्या ग्रामदैवतांक पयशे दवरुन पांयां पडपाची चाल आसा.

व्हंकल इगर्जेच्या दारांत पावली तसो धेडो येवन व्हंकलेच्या हातांत फुलांचो तुरो दिता आनी तिच्या गालाचो उमांव घेवन तिका येवकार दिता. उपरांत व्हंकल–न्हवरो दोगांय इगर्जेंत देवाच्या 'आल्तरा' सामखार वचून दिमी मारतात. देवाक नमन केल्यानतंर पाद्री व्हंकलेचो हात न्हवऱ्याच्या हातांत दिता आनी दोगांयकडल्यान, एकमेकांच्या सुख–दुखांत सांगात करपाचो, संकश्टाच्या वेळार सांबाळ करपाचो आनी एकमेकांकडेन एकनीश्ट रावपाचें उतर घेता. मागीर 'उतराच्यो गुदयो' बेंजार करुन व्हंकल–न्हवऱ्याकडेन दिता. पाद्री आनी इगर्जेंत हाजीर आशिल्ल्या लोकांचे गवायेन तीं दोगांय एकमेकांक मुदयो घालतात. तांच्या माथ्यार पाद्रीन 'आजमेंत' शिंपडायल्या नंतर इगर्जेंत मीस जाता. व्हंकल–न्हवरो कोमुन्यांव घेतात. मागीर इगर्जेच्या ऑफिसांत वचून दोगांय काजाराच्या नोंदणी पुस्तकाचेर सय करतात. ह्या वेळार दोगां 'तेश्तिमुन्यांनीय' (Testimunha) गवाय दिवन सय करची पडटा.

ह्या नंतर 'व्होर' न्हवऱ्यागेर वचूंक भायर सरता. न्हवऱ्यागेर पावतकच [illegible] जोडें व्हंकल-न्हवऱ्याक येवकार दिता. व्हंकलेन पयलीं उजवो पांय घरांत भितर घालूंक जाय. नवें जोडें घरांत भितर सरून देवाच्या आल्तारागुस्कार विंगी मागता. ह्या वेळार 'सानूद' जाता. व्हंकल-न्हवऱ्याक बरी सानूद मागपी गीतांचें गायन जाता.

जगिल्ल्यांक खावपा-पियपाक वांटटात. व्हंकलेच्या बापायन कातराक 'बरें' दिवपाची चाल आसा. वज्याखातीर अगुकच 'केळीं' आनी 'उंडे' मागतात. हीं केळीं आनी उंडे वज्याखातीर वांटटात.

'लादीन' जाल्या उपरांत शक्य आसल्यार 'दांस' (Danca) आयोजीत करतात. ह्या कार्यावळींत व्हंकल-न्हवरो दोगांय भाग घेतात.

दांस सोंपता म्हणसर फांतोड जाता. व्हंकले घरचे लोक मागीर घरा येवंक भायर सरतात. व्हंकल-न्हवरो तांकां पावोवपाक वाटेर वतात. ह्या वेळार व्हंकल-न्हवऱ्यान वाटेवयल्यांक 'गल्ल' वोडपाची चाल आसा. गल्ल वोडटकच सगळीं मुखार वतात. एकेवाटेन न्हवऱ्याघरचे आनी एकेवाटेन व्हंकलेघरचे लोक उबे रावतात. मदी थोडी जागो सोडटात. बरोबर व्हंकले सोरी कोपांनी वोतून, व्हंकले-न्हवऱ्याक बरें मागून तो सोरो जमनीर वोतून दोनूय वाटेच्या लोकांमदीं एक रेग घालतात. हाका 'शीग करप वा शीग बांदप' म्हण्टात. शीग बांदून दोनूय वाटेचे लोक आप-आपल्या घरा वतात. कांय वेळ गेल्या उपरांत व्हंकलेचो भाव परतो येवन नव्या जोडप्याक दुसऱ्या दिसा आवय-घरा येवपाचें आपोवणें दिता.

दुसऱ्या दिसा दनपारां न्हवऱ्यागेर नव्या जोडप्याक बेसांव दिवपाची सुवाळो जाता. कुटुंबीं आनी शेजार-पाजारचीं जाण्टेलीं येवन आपल्या आर्शीर्वादा वांगडा नव्या जोडप्याक कितेंय भेटवणी दितात.

जाण्टेल्यांचें बेसांव घेवन नवें जोडपें व्हंकलेघरा आपोवण्याच्या जेवणाक वचूंक भायर सरता. धेडो-धेडी आनी हेर लोकय बरोबर वतात. ह्या आपोवण्याक 'मवोंडो' वा 'फळी-जेवणा आपोवणें' अशेंय म्हण्टात. ह्या वेळार व्हंकलेन न्हवऱ्याघरचो 'साडो' नेसून वचपाचें आसता.

रातची व्हंकलेगेर 'लादीन' जाता. जेवन-खावन बरोबर गेल्ले लोक घरा परततात. नवे व्हंकले – न्हवऱ्यान ते राती थंय रावपाचें आसता. ह्या फळीच्या जेवणाक कमीत कमी पांच तरेचो फराळ आसूंक जाय.

दुसऱ्या दिसा व्हंकल-न्हवरो घरा परततात. एका दिसा उपरांत 'चोरये-आपोवणें' जाता. व्हंकल – न्हवरो परत व्हंकलेगेर वतात. हेर लोकय वतात. थंय व्हंकले – न्हवऱ्याक [illegible] दवरप, घरांतल्यो कांय वस्ती लिपोवप, व्हंकले घरच्यो कोंबयो चोरुन त्योच तांकां दिवन ताची शागोती रांदपाक सांगप, ह्या सारके फकाणां – मस्कऱ्यांचे प्रकार ह्या वेळार जातात.

व्हंकले – न्हवऱ्याचें पयले रातीचें हांतरूण, न्हवऱ्याचे भयणीन घालपाचें आसता. सकाळीं उठ्ठना न्हवऱ्यान ताच्या पोंदा कितेंय भेट दवरपाची आसता. न्हवऱ्याची लग्न जाल्ली भयण आसल्यारच हें काम करता, ना जाल्यार नात्यांतली कोणय बायल करता.

काजार जाल्या उपरांत येवपी पयल्या आयताराक नव्या जोडप्यान जोडयेन मिसाक वचूंक जाय अशी चाल आसा.

६

जिबेवयलें साहित्य

आमोणें गांव ल्हान आसलो तरी लोकवेदाच्या हेर प्रकाराबरोबरच जिबेवयल्या साहित्याचीय गिरेस्तकाय गांवांत भल्या. हिंदू आनी किरिस्तांव हया दोनय समाजाचो हे गिरेस्तकायेंत वांटो आसा. गांवांत मेळपी हे गिरेस्तकायेच्या थोड्या भागाक थळाव्यापणाचो शिक्को बसला जाल्यार थोडो भाग संवसारांतल्या खंयच्या भागांत जल्मून आज आमोण्यांत घराबो करून रावला हें सद्द्याक तरी सांगप शक्य ना.

आमोणें गांवांत मेळपी जिबेवयलें साहित्य 'विवीध रंगी' आनी 'विविध ढंगी'. ताचें वर्गीकरण फुडें दिलां ते प्रमाण करूं येता :
अ) गद्य, आ) पद्य आनी इ) हेर साहित्य.

गद्यांत फुडल्या प्रकारांचो आस्पाव जाता :

१) मिथकां वा पुराणकथा
२) आख्यायिका वा दंतकथा
३) लोककथा वा लोककाणयो

पद्याचे पोटभाग जातात ते अशे :

१) मंत्रगीतां
२) लोकगीतां
३) गीतकाणयो
४) लोक म्हाकाव्यां

हेर प्रकार

१) म्हणी
२) वाक्प्रचार
३) उमाणीं
४) उखाणे
५) हांसोवणी

अ. गद्य

गद्य वा गद्यकथन हो जिबेवयल्या साहित्याचो सगळ्यांत व्हडलो आनी म्हत्वपूर्ण असो भाग.

आमोणें गांवांत ताचे फुडले प्रकार मेळटात :

१. मिथकां वा पुराणकथा

आतामेरेन गांवांत एकठांय केल्ल्या मिथकांचे वा पुराणकथांचे फुडें दिल्ल्यात ते प्रमाण प्रकार आसात :

शेवण्यांच्यो कथा :

शेवण्याविशीचीं जायतीं मिथकां गांवांत मेळटात. देखीक :

किरकिरो नांवाचें एक शेवणें दिसभर 'किऽऽरं किऽऽरं' असो आवाज करीत रडत आसता. हो किरकिरो खंय पयलिच्या जल्मांत दादलोमनीस आशिल्लो. एक दीस तो आपले बायलेक आनी म्हातारे आवयक घेवन दुसऱ्या गांवांत वचूंक भायर सल्लो. वतां वतां वाटेर [illegible] किरकिऱ्यान आपले बायलेक फाटीर बसयली आनी तो उदकांत देंवन पलतडी वचूंक लागलो. थंयच्यान एक मनीस वतालो, तो किरकिऱ्याक पळोवन हांसलो. म्हूणूंक लागलो, "कसलो कसलो बायलगवो तो ! आपले बायलेक बरी फाटीर बसोवन व्हरता आनी ते म्हातारेक, आवयक लागून उदकांतल्यान घेवन वता !" किरकिऱ्यान तें आयकलें, ताणें बेगीबेगीन बायलेक फाटीवयल्यान देंवयली आनी आवयक फाटीर बसयली. ताची बायल बापडी भीत-भीत उदकांतल्यान पलतडीन वचूंक लागली. पूण मात्शी मुखार वतानाच तिच्या गळ्यांमेरेन उदक आयलें आनी नाका तोंडांत उदक वचून ती मेली.

किरकिऱ्याची आवय जाल्ली म्हातारी, ती रोखडीच कांय दिसांनी मेली. तेन्ना किरकिऱ्याक दिसलें, आपणें वोगीच लोकांचें सांगणें आयकून बायलेक बुडयली आनी म्हातारे आवयक उखलून हाडली. नाय जाल्यार आवय म्हातारी आशिल्ल्यान ती रोखडीच मरतली आशिल्ली आनी [illegible] मेलीय बी पूण बायलेबरोबर आपल्याक संवसार करपाचो आशिल्लो.

उपरांत पिकासांवान किरकिऱ्यान अन्न–उदक घेनासतना आपलो प्राण सोडलो. मरनकूच तो शेवणें जालो. तरी पूण तो आजय आपले बायलेक उलो मारीत भोंवता.

शेवण्यांची आनी एक काणी अशी :

'सू' आनी 'कू' नांवाच्यो दोग भयणी रानांत लाकडां हाडपाक गेल्यो. लाकडां सोदतां सोदतां जालो काळोख. दोगांय भयणीनी एकठांय केल्ल्या लाकडांचे भोरे बांदले आनी तीं दोगांय ते माथ्यार घेवन घरा येवंक भायर सल्लीं. इतक्यांत वाटेवयल्या झिलींतल्यान तांच्या कानार वाघाचें गुरगुरप पडलें तशे दोगांय भयणीनी माथ्यावयले भोरे जमनीर वडयले आनी जीव आसल्यार भीक मागून खायन म्हण थंयच्यान वाट मेळटा ते वाटेन धांव मारली.

बरे फांतोडेर वाट सोदीत सोदीत 'सू' घरा पावलें मात 'कू' आयलेंना. तेन्ना आवयन 'सू' क सांगलें, भयणीक घेवन आयल्याशिवाय घरांत घेवचीना म्हण. 'सू' न बाबड्यान भयणीक खूब खूब सोदली पूण ती ताका खंयच मेळ्ळी ना. अन्न उदक घेनासतना 'सू' क सोदता सोदता 'कू' ची पिराय गेली. शेवटी जाण्टे जावन तें एक दीस मेलें. दुसऱ्या जल्मांत ताची 'कोगूळ' जाली पूण भयणीक सोदपाचें ताचें काम थांबलेंना. दर वर्सा लाकडांक गेल्ले ते दीस लागीं पावलें म्हण्टकच तें (कोगूळ) 'कूऽऽ कूऽऽ' करून उलो मारीत आपले भयणीक सोदीत भोंवता.

जनावरांच्यो कथा :

जनावरां संबंदीत जायत्यो कथा मेळटात. तांतूत 'पार्वती आनी गाय' ही एक खाशेली कथा आसा :

एकदां रानांत गेल्लेकडेन पार्वती बाळंत जाली तेन्ना गायेन तिका मदत केली, म्हण प्रसन्न जावन पार्वतीन गायेक वर दिलो, ''आयच्यान तूंवय णव म्हयन्यांनी व्हितली आनी जल्मल्या बरोबर तुजीं भुरग्या सुडसुडीत जावन भोंवतलीं.''

आनीक एक कथा आसा, 'बैल मनशागेर कित्याक कश्ट करता' ही.

एकदा खंय महादेवान धर्तरिचेर अन्नाची अडचण जाता ती पळोवन आपल्या नंदीक सांगलें, ''आत्ताच्या आत्ता तूं धर्तीचेर वच आनी थंयच्या मनशांक म्हजो रकाद सांग, दिसाक तिनदां न्हायात आनी एकदां जेवात. तशेंच हो रकाद सांगून तूं दीस पडच्या पयलीं परतो यो !''

देवाचो संदेश घेवन नंदी धर्तीचेर गेलो पूण वाटेर ताका एकेकडेन बरोच चरोव दिसलो. तो पळोवन ताच्या तोंडाक उदक सुटलें, तो चरोव खावपाक लागलो. खाता खाता तो इतको गुल्ल जालो की ताका आपूण म्हत्वाच्या कामाखातीर आयला म्हणपाचीय याद उल्लीना. दीस अस्तमतेंत वचपाच्या वेळार ताका भान आयलें. वचपाचे गडबडींत ताणें हेवाटेन तेवाटेन पळयलें. पयस शेतांत एक मनीस खणटालो. नंदी धांवत ताच्या म्हऱ्यांत गेलो, ताणें ताका सांगलें, 'देवाचो देव महादेव, ताणें तुमकां सांगलां, आजपासून दिसाक तिनदां जेवात आनी एकदां न्हायात !''

नंदीन केल्लो गोंदोळ पळोवन महादेवान ताका रागान शिराप दिलो, ''आजपासून धर्तरिवयल्या मनशांक दिसाक तिनवेळा जेवपाक लागता तितलें अन्न पिकोवपाखातीर तूं आनी तूजे वंशज वर्साक बाराय म्हयने कश्ट करतले !'' देवान दिल्लो शिराप आयकून नंदी भिलो. ताणें देवाकडेन चूक मागली. मागीर देवाकय ताची काळकूट येवन ताणें ताका उश्राप दिलो, ''वर्साक एकदा म्हणजे गोरवां पाडव्या दिसा तुमकां सुशेग मेळटलो, जो कोण त्या दिसा तुमचेकडल्यान काम करून घेतलो ताचें केन्नाच पोट भरचेंना !''

देवांच्यो कथा :

देव हें प्रमुख पात्र आशिल्लीं जायतीं मिथकां मेळटात. 'गणपतीक सोंड कशी आयली ?,

कार्तिक स्वामीचें बायलांनी तोंड कित्याक पळोवंक नाका, '[illegible] लागलें ?' 'दारांत तुळस कित्याक बांदतात ?' अशीतरेच्या गाजाल्यांचें स्पश्टीकरण करपी मिथकां मेळटात.

देवांच्या मिथकां सारकीं जितीं आम्याय कशेंक मेळटा आनी [illegible] मेळटात अशी एक कथा आमोण्यांत आयकूंक मेळटा, ती अशी :

पयलीं खंय बायलो भश्ट्यो जायनाशिल्ल्यो तर दादले भश्ट्ये [illegible] जातालीं. दादल्यांक येवपी हें भश्टें अनियमीत आशिल्लें आनी तें [illegible]. देवांचो देव महादेवय हाका आडवाव नाशिल्लो.

एका दिसा देवांचे सभेत बशिल्लेकडेन महादेव भश्टो जालो. तेन्ना [illegible] आपल्याक जावपी रक्तस्त्राव ताणें सायला रुखाच्या तरन्या पानांक पुसलो. ([illegible] गुड्डीत जाल्यार हाताक तांबडें लागता ताच्या फाटल्यान हो समज आसा.) [illegible] आनी ताणें आपले बायलेक पार्वतीक आपलें भश्टें घेवपाची विनवणी केली. पार्वतीन मान्य केलें. तेन्ना महादेवान प्रसन्न जावन तिका वर दिलो, "आजपासून तुका (बायलांक) [illegible] नियमीतपणान म्हयन्याक एकदांच येतलें आनी खंयच्याय वेळार जावन [illegible] येवचोना !"

गिऱ्यांच्यो कथा :

गिऱ्यांविशीय जायत्यो कथा आयकूंक मेळटात, तांतली एक अशी :

सूर्य आनी चंद्र हे एके आवयचे दोग पूत. दोगय वयांत आयिल्ले आशिल्ले. एका दिसा तांची आवय न्हंयचेर न्हाताली. हे दोगय भाव तेवाटेन वचूंक लागले. आवय न्हाता ती पळोवन सूर्यान नदर दुसरेवाटेन धुंवडायली. पूण चंद्र मात लिपून तिका पळोवपाक लागलो. आवयक जेन्ना हे कळ्ळें तेन्ना रागान तिणें चंद्राक शिराप दिलो, "तुज्या काळ्या कर्तुबांची याद म्हण तुज्या आंगार काळीं खतां पडटलीं !" त्याच बरोबर तिणें सुर्याक सदांच तेजोवंत दिसतलो म्हण वर दिलो.

नकेत्रांच्यो कथा :

गिऱ्यांसारकींच मळबांत जायतीं नकेत्रां दिसतात. हांतल्या जायत्या नकेत्रांविशीं तरेकवार मिथककथा आसात. सगळ्यांत चड चालंत आशिल्ली कथा म्हडजे 'ध्रुव' नकेत्राची. ती अशी :

उत्तानपाद नांवाच्या एका राजाक सुनीती आनी सुरुची नांवाच्यो दोग राणयो आशिल्ल्यो. सुनीती नावडटी जाल्यार सुरूची आवडटी आशिल्ली. सुनीतीक ध्रुव नांवाचो एक पूत आशिल्लो. तो चार-पांच वर्सांचो आसतना एकदा बापायचे मांडयेर बशिल्लो तें सुरूचीन पळयलें आनी तिणें देवन ताका ओडून सकयल वडयलो. तेन्ना आपमानीत जावन ताणें विष्णुची अखंड आराधना सुरु केली.

बारा वर्सां तप केल्ल्या उपरांत विष्णु ताका प्रसन्न जालो तेन्ना ताणें विष्णुकडेन वर मागलो, ''म्हाका रावपाक सगळ्यांत वयर जागो दी, ज्या जाग्यावयल्यान म्हाका कोणूच वोडून सकयल वडोवपाक पावचोना !'' तेन्ना विष्णुन 'तथास्तु' म्हळें आनी ताका एका नकेत्राचें रुप दिवन मळबांत वयर व्हरून बसयलो.

जातीचे उत्पत्तेविशींच्यो कथा :

देवान दोन मनीस तयार केले आनी तांच्या मुखार दोन पर्याय दवरले. तांकां सांगलें की तुगकां कोण जावपाचें आसात तें सांगात. 'म्हार' जायत जाल्यार जेवपा–खावपाची वाण आसचीना पूण रुप मेळचेंना. जर 'चामार' जायत जाल्यार 'रुप आनी कात' सुंदर जातली पूण जेवणार्च मारामार आसतली. तेन्ना एक मनीस 'म्हार' जावंक आनी एक मनीस 'चामार' जावंक तया जालो. अशेतरेन म्हार आनी चामार दोनय जातींची उत्पत्ती जाली.

२. आख्यायिका वा दंतकथा

आख्यायिका वा दंतकथा दोन तरेच्यो आसतात. थळाव्यो आनी भोंवत्यो.

थळाव्यो :

आतामेरेन आमोणें गांवच्या लोकसंस्कृतीचेर बरयतना, बरोवपाच्या ओघांत कितक्य तरी आख्यायिका ह्या ना त्या संदर्भान सांगल्यात. तांतूत गांवच्या म्हालजल्म्याची आख्ययिका, खुंटयेची आख्यायिका, शेटकारांचे काळंबेची आख्यायिका, भारव्दाज गोत्री भटांच्या घरांत आशिल्ल्या देवतेच्या वरदहस्ताची आख्यायिका, अशा कितक्या तरी थळाव्या आख्यायिकांविशीं सांगप जालां.

भोंवत्यो :

'राजा चंद्रहासाची' एक आख्यायिका गांवांत आयकूंक मेळटा. ही आख्यायिका भोंवती.

३. लोककथा वा लोककाणयो

गद्यकथनाचो सगळ्यांत व्हडलो भाग म्हळ्यार लोककथा वा लोककाणी. गोंयांत सर्वसादारणपणान जाका 'काणी' म्हण्टात तो होच प्रकार.

लोककथेचे वेग–वेगळे गुणधर्म लक्षांत घेवन आमोणें गांवांत मेळपी कथांचें फुडल्या प्रमाण

वर्गीकरण करूं येता :

अद्‌भूत कथा :

देखीक :

– भांगराचें उदक, गावपी झाड आनी उलोवपी कीर.
– कुंडेकुस्कूट (कुंडेकुस्कूर)
– महादेव–पार्वती आनी कंकले खातीर रडपी म्हातारेचो पोरो.
– कुल्ली आनी राजकुंवर.
– बेबो आनी राजकन्या.
– भोळी गाय आनी दुबो.
– 'म्हाका आयणो जाय' म्हणपी राजकन्या.
– 'बापायचेर मिठा इतलो मोग' आसा म्हणपी राजकन्या.
– पडोळ्याची कांणी.
– सात भावांची एक भयण.

चलाखीच्यो कथा :

देखीक :

– आटवो टिटवो आनी राकेस.
– धुवेगेर वचपी म्हातारी.
– तीन भाव अनी चेटकी म्हातारी.
– वाग आनी सोंसो.
– मानगें आनी माकोड.
– वागा घोलींत कोलो.
– वाग आनी कोल्याचें झूंज.
– कोलो आनी कोली.

निती कथा :

देखीक :

– हावरो सोंसो
– माकोड आनी लोणी
– माजर आनी खीर

– भांगरा कुरांड
– हावरो भट

हास्य कथा :

देखीक :
– भट आनी ताचो मूर्ख मानाय.
– चोरुन खीर खावपी जांवय.
– भविश्य सांगपी जांवय.
– भट–भटीण आनी वडे

पुराण कथा :

लोककथांच्या रूपांत जायत्यो पुराण कथा मेळटात. ह्या काणयांनी पद्य भरपूर आसता. रामायण आनी महाभारतांतल्या प्रसंगांचेर जायत्यो काणयो मेळटात, देखीक :
– हरिश्चंद्रराजा आनी विश्वामित्र मुनी
– कृष्णान केल्लो कंसवध
– सत्यभामेच्या दारांतलो पार्जत.
– बलरामकन्या वत्सलेचें अभिमन्युकडेन लग्न
– गोरखनाथ
– बाळ चिल्लया
– प्रल्हाद आनी हिरण्यकश्यपु

ह्या सारक्यो काणयोय गांवांत आयकूंक मेळटात.

माळकथा :

देखीक :
– हुंदराची हुंदुल्ली
– कीड आनी किटूर

आ. पद्य

आमोणें गांवांत पद्याची खूब गिरेस्तकाय भरल्या. ताचे फुडले प्रकार गांवांत मेळटात :

१. मंत्रगीतां

गांवांत जायतीं मंत्रगीतां मेळटात. देखीक : आपल्या भुरग्याक दिश्ट लागल्या अशें दुबाव आयलो जाल्यार आवय मुठींत मीठ-मिरसांगो घेवन (हेंवयतना) तांची दिश्ट काडटा. ना तेन्ना ती कांय मंत्र म्हणटा. हे मंत्र गीताच्या रुपांत आसतात.

बाऱ्या – सुत्रांची
भायल्या – भितरल्यांची
येतल्या – वतल्यांची
बाबाची दिश्ट वचूं
तेंच्या दोळ्यांत माती पडूं !

'रेंच काडटना' य अशेतरेचीं मंत्रगीतां म्हण्टात.

२. लोकगीतां

पद्याच्या ह्या प्रकारानच लोकवेदाक खरें म्हळ्यार चड गिरेस्त केल्लें आसा. आमोणें गांवांत ह्या प्रकाराचें संकलन भरपूर मेळटा.

लोकगीतांचे फुडले प्रकार गांवांत मेळटात.

अ) भुरग्यांचीं गीतां,
आ) बायलांचीं गीतां,
इ) दादल्यांचीं गीतां,
आनी
ई) जोडगीतां

अ) भुरग्यांचीं गीतां

भुरग्यांचीं गीतां दोन तरेचीं मेळटात, 'भुरग्यांक दुसऱ्यान गायिल्लीं गीतां' आनी 'भुरग्यांनी स्वता गायिल्लीं गीतां'

भुरग्यांक दुसऱ्यान गायिल्लीं गीतां :

हाचेमदींय जायते प्रकार मेळटात. हीं गीतां भुरग्यांक न्हिदयतना, धोलयतना, खेळयतना,

भरयतना, अशा जायत्या प्रसंगांनी चड करुन भुरग्याची आवय, आजी, आजो, बापूय, आतें, काका, काकी अशीं नात्यांतलीं मनशां गायतात. भुरगें तीन–चार वर्सांचें जाय मेरेन अशीं गीतां ताचेखातीर गायिल्लीं दिसतात.

न्हिदयतनां गावपाचीं गीतां :

न्हिदयतना गावपाच्या गीतांक आल्लयो वा ललयो अशेंय म्हण्टात. हांतूत,

जय बाये जय
आनी बिलून खाली सोय
जयीन बाबा भागलो रे
आनी जांभयो काडूंक लागलो.

वा

यो गे न्हिदे
न्हिदेच्या गे वेळा
दिसभर खेळून
बाबाक पुरो जालां.

ह्या सारक्या गीतांचो आस्पाव जाता.

धोलयतनां गावपाचीं गीतां :

ल्हान भुरग्याक मांडयेर बसोवन हे वाटेन ते वाटेन धोलोवन खेळोवपाची पध्दत आसा. भुरगें रडटा जाल्यार ताका धोलयल्यार तें रोकडेंच थांबता. ह्या वेळार,

धॉल बाये धॉलाचें
पाळणें बांदलां फुलांचें.

वा

धॉल बाये धॉल
पदेरान हाडल्यात बॉल.

हे सारकीं गीतां गायतात.

भरयतना गावपाचीं गीतां :

भुरगें जेवतना वा दूद पितना किरकीर करता जाल्यार आवय ताका [illegible] [illegible] सुकण्यां-सावदांचीं नांवां घेवन तरेकवार गीतां रचून फुसलावन भरयता.

एक भोबो ताटाचो
मामागेल्या शेता—भाताचो
रोसां बुडोवन खाया गे
हाम्म कोराय गे ! हाम्म !

चलपाक शिकयतना गावपाचीं गीतां :

इबी गे एबी
हात सोडून इबी

वा

च्याल गे च्याऽऽल
च्यालता बाये च्याऽऽल.

ह्या सारकीं गीतां भुरग्यांक उबें रावपाक वा चलपाक शिकयतना म्हण्टात.

तीट करतना गावपाचीं गीतां :

आपल्या भुरग्याक दिश्ट लागनये म्हण ताच्या कपलाक काळी 'तीट' लायतात. [illegible] तशेंच तिनीकात्रीच्या वेळार देवा—दिव्याची काजळी लावन तीट करतात. त्या वेळार म्हण्टात.

आंदा बांदा गिरगीर चांदा,
वाटीभर गंधा, शिपीभर अक्षदा
बाबाच्या (बायेच्या) कपलाक तीऽऽती !

खेळयतना गावपाचीं गीतां :

भुरगें मात्शें आपल्या मनशांक वळखता अशें जालें म्हण्टकच ताका तरेकवार खेळ शिकयतात. ह्या खेळांक लागून भुरग्याच्या आंगाच्या दर एका अवयवाक, ताचे वाडीक पुरक अशें व्यायाम जाता. दर खेळाचें खाशेलें गीत आसता :

येतें येतें येतें
बस रे मोरा
बाबा ना धरा
ताका कोण घाली चारा
चार खा पाणी पी
भुऽऽर्र मोरा !

वा

आंगश्यो मांगश्यो
कितके भोबे ?
धा — ब्यारा
एक कोणाक ?
एक बाबाक !

अशेतरेचीं खेळगीतां आसतात.

भंय दाखोवपाखातीर गावपाचीं गीतां :

भुरगें कित्याकय हट्ट धरुन रडटा वा न्हिदपाचें सोडून किरकीर करता जाल्यार ताका भंय दाखोवपाखातीर गावपाचीं जायतीं गीतां आसात :

घुगी गे घुगी
आंबाड्यार उबी
रडटल्या भुरग्याक
व्हर गे बेगी !

हें गीत चड चालंत आसा.

भुरग्यांनी स्वता गायिल्लीं गीतां :

चार ते अकरा वर्सां वयोगटांतल्या भुरग्यांनी स्वता गयिल्लीं गीतां फुडल्या तीन प्रकारचीं मेळटात.

खेळगीतां :

तरेकवार खेळ खेळटना भुरगीं गीतां गायतात. दर खेळाचें खाशेलें गीत आसता, देखीक :

आपालिपां खेळटना भुरगीं म्हण्टात :

आपालिपा सायलिपा,
साळचो गोंडो जिखून घर
कानांत कितें ?
मु ऽऽ दी ऽऽ !
चल वांगड्याच्या सो ऽऽ दी !

नाचगीतां :

भुरग्यांक जशे खेळ आवडटात तशेच तरेकवार नाचय नाचूंक आवडटात. हे नाच गीतांबगर नाचप शक्य ना.
नाचगीतां चलयांमदीं चड मेळटात :

एक नरिंग पिकलेलें, पिकलेलें,
गवळ्यामामान जिखलेलें, जिखलेलें,
गवळी माम चोर,
आमगेर आसा मोर !

अशेतरेचीं नाचगीतां मेळटात.

हेरगीतां :

भुरगीं कांयवेळार प्रसंगानुरुप अशीं गीतां म्हण्टात. खेळगीतां वा नाचगीतां परस हीं गीतां वेगळीं आसतात. देखीक : एकाद्र्या भुरग्याक आनीक पापोड जाय आसलो जाल्यार तो आपले 'बा'क म्हण्टा :

वण्टीवयल्यान येयलो माकोड
घेवन गेलो पापोड
बा गे बा म्हाका पापोड जाय !

एकाद्र्या आंब्यामुळांत वा चिंचेमुळांत रावन 'आंबो' वा 'चिंचेबोट' वडोवपाखातीर वाऱ्याक

फुसलायतना भुरगीं म्हण्टात :

वाऱ्या वाऱ्या यो यो
पान पडल्यार तुका
आंबो (चिंचेबोट) पडल्यार म्हाका !

आ) बायलांचीं गीतां :

लोकगीतांचें चड दायज बायलांकडेनच आसा. तरेकवार प्रसंगांनी गीतां गावन आपल्या काळजांतल्या उमाळ्यांक त्यो वाट करून दितात.

आमोणें गांवांत बायलांच्या लोकगीतांचे चार प्रकार मेळटात :

विधीगीतां, नृत्यगीतां, व्रतगीतां आनी वावरगीतां.

१. विधीगीतां :

गांवच्या लोकांचीं जीण तरेकवार विधी–संस्कारांनी व्यापिल्ली आसा. ह्या विधी – संस्कारांच्या वेळार बायलो आपल्या मनांतल्यो भावना व्यक्त करपाखातीर, तसोच कार्याक रंग हाडपाखातीर प्रतीकात्मक आनी सांकेतीक अशीं गीतां गायतात.

भुरग्याक पाळण्यांत घालपाचो विधी करतना त्यो विवीधतरेचे 'पाळणे' गायतात. लग्नसुवाळ्यांत हिंदू समाजांतल्यो बायलो 'होंवयो' गायतात जाल्यार किरिस्तांव समाजांत 'येर्स' गायतात. [पळयात : संस्कार आनी परंपरा]

२. नृत्यगीतां :

बायलांच्या नृत्यगीतांचे दोन प्रकार मेळटात :

'धालो गीतां' आनी 'फुगडी गीतां'. हे दोनय प्रकार समूह गायनाचे.

धालो गीतां :

गांवांत हिंदू आनी किरिस्तांव ह्या दोनय समाजामदीं धालो गीतां मेळटात. हिंदू समाजाचीं शंबरांवयर गीतां सद्द्याचे परिस्थितींत गांवांत आसात जाल्यार किरिस्तांव समाजाची फकत णवूच

गीतां आतामेरेन मेळूंक शकल्यांत.

धालो गायतना दोन वळी करतात. एक वळ नाचत – गायत दुसरे म्हयान्न येवन वता आनी मागीर दुसरीय तशेंच करता.

हिंदूंच्या धालो गीतांची सुरवात 'मांड सारोवन' जाता. ''**गंवात मांड सारयला गो, धुपेलान मांड सारयला**'' अशें म्हुणून गीत गायल्या उपरांत, 'मोनी दिसात' म्हळ्यार एक वळ मोनीच (कांय म्हणनासतना) दुसरे वळी म्हऱ्यांत येवन वता. दुसरी वळ मागीर तांगेलें वळीक विचारता :

मोनी आल्यो मोनी गेल्या किर्तें गे बायानो ?
मोनी आल्यो मोनी गेल्या किर्तें गे बायानो ?

पयली वळ दुसरे वळीक जाप करता :

आमंच आले बायी लेकी काजळ गे,
लेकीबायेचो आवय–बापूय नायी घरा गे.

हिंदू समाजांत मेळपी धालोगीतांचे दोन प्रकार दिसतात :

'धालांतलीं नृत्यगीतां' आनी 'धालांतलीं विधीगीतां'.

धालो हें एक धार्मिक नृत्य आशिल्ल्यान ताची सुरवात आनी शेवट कांय विधींनी जाता. ह्यो विधी करपाच्या वेळार कांय गीतां म्हणपाचीं आसतात.

धालांतलीं नृत्यगीतां :

धालांतलो मुखेल भाग म्हळ्यार नृत्यभाग जेन्ना चालू आसता, त्यावेळार जीं गीतां गायतात, तीं नृत्यगीतां.

श्री धालो रे धालो धालांनी खेळूं या रे धालो, धालांनी खेळूं या !

वा

आमी देवांच्यो रंभा गे आमी मांडार खेळूं आल्यो गे, आमी मांडार खेळूं आल्यो !

ह्या सारकीं गीतां नृत्यगीतां.

धालांतल्या नृत्यगीतांचे तीन प्रकार मेळटात : देवांचीं गीतां, रंभांचीं गीतां आनी मनशांचीं

गीतां.

देवांचीं गीतां : घालांतलीं कांय नृत्यगीतां फकत देवांची स्तुती वा वर्णनां करुन गायिल्लीं मेळटात. देखीक :

खण कुदळा, खण कुदळा, मणभर माती,
मणभर माती रे घालो मणभर माती.

चंद्रेश्वरदेवाक देवूळ बांदलां मध्यानी राती
मध्यानी राती रे घालो मध्यानी राती.

देवांचीं गीतां परत दोन तरेचीं मेळटात : एकाच देवाक उद्देशून म्हणिल्लीं आनी जायत्या देवांचीं नांवां घेवन म्हणिल्लीं.

चैत्र पुनवे दिवशी यात्रा देवांची
रथ घडविला चाफ्याचा गे,
रथ घडविला चाफ्याचा.

ह्या सारकें गीत फकत चंद्रनाथ पर्वतावयल्या चंद्रेश्वराक वा चंद्रेश्वराचे जात्रेचें वर्णन करुन म्हणिल्लें आसा. ह्या गीतांत दुसऱ्या देवाचें नांव घेवंक मेळना वा आपल्याक जाय तितकें वाडोवंकय मेळना पूण अशीं कांय गीतां आसात, जांतूत आपल्याक जाय त्या देवांचीं नांवां घेवन तें गीत जाय तितकें वाडोवंक मेळटा. देखीक :

तळ्यांतली दाणय, तळ्यांतली दाणय, तळयांत फिरता,
तळ्यांत फिरता गे घालो तळ्यांत फिरता.

(जल्मीदेवालो) रथ येवन मांडार खेळटा,
मांडार खेळटा गे घालो मांडार खेळटा.

अशेतरेच्या गीतांनी खंयच्याय देवाचें नांव चुकून उरून ताचो आपल्याचेर कोप जावंचो न्हय म्हण निमाणें 'सर्वयांक' म्हणपाची गरज आसता. देखीक : 'तळयांतली दाणय' हेंच गीत पुराय करपाचें आसल्यार अशें म्हणप :

तळ्यांतली दाणय, तळ्यांतली दाणय, तळ्यांत फिरता,
तळ्यांत फिरता गे घालो तळ्यांत फिरता.

(सर्वय) देवांलो रथ येवन मांडार खेळटा,
मांडार खेळटा गे घालो, मांडार खेळटा.

रंभांचीं गीतां : कांय नृत्यगीतां फकत रंभांच्याय भेस-अळंकारांचें वर्णन करून वा [illegible] येवपाखातीर होरावन गायिल्लीं आसात, देखीक :

बत्तीस पावणे, तेत्तीस सरहद, देवोनी आल्यो रंभाबायो गे,
देवोनी आल्यो रंभाबायो गे.

देवोनी आल्यो रंभाबायो गे, तुमी कशानी वळखल्यो गे,
तुमी कशानी वळखल्यो ?

पांयांशी पद्मा, हाताशी झारी, कपली चंद्र, तेणी वळखल्यो
आमी रंभाबायो गे,
तेणी वळखल्यो आमी रंभाबायो.

रंभावांगडा रंभांच्या भावाकय म्हळयार 'पुंडलीक' हाकाय मांडार आयोजनाखातीर गीतां आसात :

आबोलेच्या गोंडा, शेंवतेच्या देठा,
पुंडलीका भावा तुका रात जाली रे,
पुंडलीका भावा तुका रात जाली.

आबोलेच्या गोंडा, शेंवतेच्या देठा
पुंडलीका, भावा तुका खेळों येवपा जाय रे,
पुंडलीका, भावा तुका खेळों येवपा जाय.

मनशांचीं गीतां : मांडार जमिल्ल्या बायलांचीं, तांच्या भुरग्यांचीं, घोवांचीं, तांचे जातींचीं नांवां आनी वर्णनां करुन गावपाचीं जायतीं नृत्यगीतां आसात. हीं गीतां लेगींत दोन तरेचीं मेळटात : एका प्रकारांत गांवच्या सगळ्या बायलांचीं वा गांवांतल्या सगळ्या जातींचीं नांवां घेवंक मेळटात.

देखीक :

आकळी काय कुकळी काय
तांदूळ काणू विसल्ली, तांदूळ काणू विसल्ली.

(अंबिकेक) घोवान हाडिल्ली पुतळी बाय,
बरी रसीम गोंड्याक गुंतली, सद्दां गळ्यांत घातली.

ह्या गीतांत मांडार जमिल्ल्या सगळ्या बायलांचीं नांवा घेवंक मेळटात.

इकडेन धांव रे, तिकडेन धांव रे,
तेंडलेच्या बेला, तेंडलेच्या बेला

(गांवकान्नीगेर) बाळ जाला,
धांव रे (गांवकारा) तेला, धांव रे (गांवकारा) तेला.

ह्या गीतांत एक एक करुन तांच्या तांच्या मानाप्रमाण गांवच्या सगळ्या जातींचीं नांवां गुथूंक मेळटात.

दुसऱ्या प्रकारांतलीं गीतां कांय खास मनशांकच उद्देशून म्हणिल्लीं आसतात, तीं जाय तशीं वाडोवंक मेळनात. देखीक :

कांकणकारा वळारा, तुजी बायल गेली कुळारा,
तुजी बायल गेली कुळारा.

वचूंनी तिका, वचूंनी तिका,
तांबडी साडी न्हेसुनी तिका, तांबडी साडी न्हेसुनी.

धालांतलीं विधी गीतां :

धालांचो उत्सव सोंपोवपाच्या वेळार जायते विधी करपाचे आसतात. ह्या एका एका विधी वेळार वेग–वेगळें गीत आसता. जेन्ना सगळ्या बायलांनी मांडार दिमी घालपाची आसता, तेन्ना गायतात :

सावकू बावकुल्यो
चौगी मेळाल्यो
एक नार पाणया गेल्या
हात भरले घुलांनी
गोंयचे घुलघुले
भावाचे भयणुले
भावा घरचे आठ गुंडे
मावळ्या घरचे आठ गुंडे
सोळाय गुंडे भूंय दवरतात
(यशोदेबायेक) फुलां माळात
(यशोदेबायेचे) भाव म्हणजे
(भाटीकार) चौगुले
आमचे बरोबर खेळटा गडये
दिमी घाल गे.

हे रितीन मांडार जमिल्ल्या सगळ्या सवायशिणींचीं एक एक करुन नांवां घेतकच, एक एक करून सगळ्यांनी मांडार दिमी घालप. सगळ्या सवायशिणींनी दिमी घालून जातकच घाल्ली तशी एक एक करुन दिमी परत काडपाक लावप. ह्या वेळार गावपाचें आसता :

सावकू बावकुलो
चौगी मेळाल्यो
एक नार पाणया गेल्या
हात भरले घुलांनी
गोंयचे घुलघुले
भावाचे भयणुले
भावा घरचे आठ गुंडे
मावळ्या घरचे आठ गुंडे
सोळाय गुंडे भूंय दवरतात
(यशोदेबायेक) फुलां माळात
(यशोदेबायेचे) भाव म्हणजे
(भाटीकार) चौगुले
(भाटीकारांचें) लेकरूं भांगर
हाय हाय सोनसाय

सोनपेटीलां, सोनपेटीलां
(यशोदेबायेचे) चोळये
आमचे बरोबर खेळटा गडये
दिमी काड गे.

दिमी काडल्या उपरांत निमाणो विधी जाता शेण कालोवपाचो. गांवकान्न शेण कालयता त्या शेणाचो मागीर सगळ्यो सवायशिणी आपल्या कपलाक तिबो लायतात. शेण कालोवपा वेळार गायतात :

शेण कालयतां
शेण कालयतां,
शेणां पडला किडा रे धालो
शेणां पडला किडा.

धालांच्या माथ्यार
शेणाचा काला,
आयच्यान धालो सोपोवया गे
आयच्यान धालो सोपोवया.

आमोणें गांवांत मेळपी किरिस्तांव समाजांतल्या धालो गीतांचें सद्द्याचे परिस्थितींत तरी वर्गीकरण करप शक्य ना कारण आतामेरेन फकत णवूच गीतां मेळल्यांत. तशेंच तांच्या धालो नृत्याची समर्पक अशी माहितीय आता मेरेन मेळळीना.

गांवांत मेळपी किरिस्तांव समाजांतलीं धालो गीतां, हिंदूंच्या धालो गीतांकडेन खूबच लागीचें नातें दाखयतात. कांय गीतांचे रचनेंत आनी ताला–सुरांतय सामकें साम्य आसा. कांय गीतांनी तर हिंदू देवांच्या नांवांच्या बदला किरिस्तांव देवांचीं नांवां दिसतात आनी किरिस्तांवांचे बोलयेप्रमाण उतरांचे उच्चार बदल्ल्यांत इतलोच फरक जाणवता. देखीक : हिंदूंच्या धालांचें एक गीत आसा,

तळयेच्या तुंबा गा, हो कापूर कोणें धुला गा
हो कापूर कोणें धुला.

चंद्रेश्वरदेव न्हाला गा, तेचा पाट सोडून दिला गा,
तेचा पाट सोडून दिला.

जाल्यार किरिस्तांव समाजांत अशेच तरेचें एक धालो गीत आसा.

तळयेच्या तुंबा गा हो कापूर कोणें धुवला गा
हो कापूर कोणें धुवला.

सांतादुर्गेन तेल काडला गा तेचा पाट मोडून दिला गा
तेचा पाट मोडून दिला.

फुगडी गीतां :

फुगडी गीतांचे गांवांत फुडले प्रकार मेळटात :

सादे फुगडेचीं गीतां :

सगळ्यांत चड गीतां मेळटात तीं ह्या प्रकारांत. हांतूं एकटी म्हणटा आनी बाकीच्यो बायलो तिका साथ दितात.

गायेचा गाय अवतार मौजेचा
म्हाजे रंगले गे मन,
पयला अवतार चंद्राचा
चंद्र चाले गे रात्रीचा.

वा

मध्यानी राती शंख वाजविला
शंखाच्या नादार गोवींद गोपाळ उठला.

ह्या सारकीं देव–देवतांची वर्णनां करपी गीतां मेळटात. तेच बरोबर,

चंदनाच्या सावळे मदे
दोगांय गे उबीं
भाव–भयणी एके भेटे
आत्या बांदिला रतन खांब्या
भुकेन भुकेला (इठ्ठल) बाळ
आपो धाडा गे (केंसर) भयणी.

वा

बारीक शेला वाऱ्याने गेला
शेला भिजला दुखाने,
पयलीं आशिल्ली आईचे कुशी
आतां देवा झाली मी लोकांची.

अशेतरेचीं भावस्पर्शी गीतां आसात, तेचबरोबर एकमेकांची फकाणां–मस्कऱ्यो करून गायिल्लींय गीतां आसात. देखीक :

शंकरपाळी तिकीट काढी
बिस्कीट कोणी व्हेली
गड्यांनो बिस्कीट कोणी व्हेली.
उठा गड्यांनो करा तयारी
(मोहिनी)च्या लग्नाची
गड्यांनो (मोहिनी)च्या लग्नाची.

भोंवरे–फुगडेचीं गीतां :

भोंवरे–फुगडेचीं खाशेलीं गीतां आसात. हीं गीतां गायल्या शिवाय भोंवरी–फुगडी नाचपच शक्य ना.

माते जातो मी कंस मथुरेंत,
माते जातो मी कंस मथुरेंत.

बाळा मथुरेंत कंस तुजा काळ,
बाळा मथुरेंत कंस तुजा काळ.

वा

न्हेसली कांचन साडी हो राया,
न्हेसली कांचन साडी.

चडली मोगरे झाडार ओ गया,
चडली मोगरे झाडार.

ह्या सारकीं गीतां भोवरे–फुगडेचीं.

बेबके–फुगडेचीं गीतां :

मुगली हातांत दिवदुली, दिवदुली
आमगेर आमा पणटुली, पणटुली !

ह्या सारकीं गीतां बेबके–फुगडेचीं.

दोट्टे–फुगडेचीं (कचे) गीतां :

कचे बाये कचे
वल्ली भर कचे,
आमच्या गणपतीक
भांगराचे मोचे !

वा

केंस बाये केंस
वल्ली भर केंस
आमच्या जल्मीदेवाक
भांगराचे लेंस !

ह्या सारकीं गीतां दोट्टी–फुगडी (कचे) नाचतना म्हण्टात.

जोडये–फुगडेचीं गीतां :

जोडये–फुगडेचीं कांय गीतां गांवांत मेळटात. देखीक :

आंबा पिकतो
रस गळतो,

कोंकणचा राजा येवन
झिम्मा खेळतो !

रगडे–फुगडेचीं गीतां :

रगडे–फुगडेचीं जायतीं गीतां आसात.

दिता म्हण्टालें तें
दिगे सायबिणी
रगडो घुंवडायतां,
नाजाल्यार
तुज्या पांयांकडेन
कपल फोडितां !

हें गीत गांवच्या चलयांचे चड आवडीचें.

हातफेऱ्याचे–फुगडेचीं गीतां :

वाटे वयलो चिड्डो लवलवता,
लवलवता !
दर्यांतलें सुंगट पिटपिट्टा,
पिटपिट्टा !

वा

इल्ली इल्ली सांगशी सामराची, सामराची
तेंतू बसल्या देवती बाय भांगराची, भांगराची !

अशीं गीतां हातफेऱ्याचे–फुगडेचीं.

दांड्यावयले–फुगडेचीं गीतां :

दांड्यावयले–फुगडेचींय जायतीं गीतां आसात पूण मुखार दिलां तें गीत चड आवडीचें :

दांड्यावयलीं फागलां आमी खेळयालीं,
दांडो मोडून आमी बचयालों.

बेबकी-फुगडी, दोट्टी फुगडी, मोडी-फुगडी, गाडी फुगडी, [illegible] फुगडी, दांड्यांवयली फुगडी, ह्या सगळ्या फुगड्यांचीं गीतां आकारान ल्हान, [illegible] गीतांचे निगाणेकडने 'फू ऽऽ फू ऽऽ फू ऽऽऽ' अशें म्हणत नाचाची गती वाडोवपाची आसता.

उबे–फुगडेचीं गीतां :

सोम शिवा ! सिध्दा देवा !
सुर्याच्या आसनार
घेतलाय प्राण.
तो प्राण पावला
एका एकादशी
एका एकादशी म्हुणून
खावनये भाकरी
चिमण चाकरी
यमाची !
सोमा शिवा ! सिध्दा देवा !

उबे–फुगडेचें हें एकूच गीत मेळटा. गीताच्या शेवटाक नाचपी आपल्या नाचाची गती वाडयतात आनी '**सोम शिवा ! सिध्दा देवा !**' हीं दोनच उतरां पुरो जायसर म्हणटात.

धालो–फुगडेचीं गीतां :

धालांतलीं गीतां म्हण्टना जशी एके वळीक दुसरी वळ जाप दिता तशेच हांगा घडटा. नाचाचो प्रकारय धालां सारकोच. देखीक :

पयली वळ – तुमी खंयच्या गांवच्यो नारी गे ? तुमी खंयच्या गांवच्यो नारी ?

दुसरी वळ – आमी (आमोणें) गांवच्यो नारी गे, आमी (आमोणें) गांवच्यो नारी !

पयली वळ – तुमी कित्यार बसून आयल्यांत गे ? तुमी कित्यार बसून आयल्यांत ?

दुसरी वळ – आमी (घोड्यार) बसून आयल्यांत गे, आमी (घोड्यार) बसून आयल्यांत !

बसके–फुगडेचीं गीतां :

हया फुगडेच्या प्रकारांत गीतमय अशें संभाशण आसता. नाचपी बायलो प्रसंगानुरुप अशे गीतमय संवाद वेळार घडयतात.

गांवांत मेळपी '**नागडी–फुगडी**' हो फुगडेचो एक वेगळो प्रकार म्हणचे परस एक आंगवण म्हण तिका चड म्हत्व आशिल्ल्यान तांतूत वेगळीं अशीं गीतां मेळनात, तर सादे–फुगडेचींच गीतां त्यावेळार म्हण्टात.

३. व्रतगीतां :

आमोणें गांवांतल्या सगळया जाती–धर्माच्यो बायलो आपल्या घोवाक, भुरग्यांक वा कुंटुबांतल्या हेर व्यक्तींक बरी भलायकी लाबची आनी संवसारांत सुख–समाधान आसचें म्हण कितकीं तरी व्रतां करतात. हया सगळया व्रतांच्या वेळार गीतां गायतात अशें ना, पूण भट सामाजांतल्यो बायलो मात वटसावित्री आनी मंगळागौरीक कांय पारंपारिक गीतां वा आरत्यो आवर्जून म्हण्टात. हया गीतांची भाशा पुरायतरेन मराठी दिसता.

मंगळागौरीची–गीतां :

मंगळागौरीची जायतीं गीतां आसात, पूण चड चलणुकेंतलें गीत अशें :

सद्भावे उजवाती आरती करूनी पूजना
हे देवी करुनी पूजना ।।धृ।।
श्रावण मासी मंगळवारी
जमविल्या सकल त्या नारी
पुजनाची आवड भारी वाटते मना
गे अमुच्या वाटते मना ।।१।।

शोडपरीची पत्री आणूनी
पूष्पहार माळा करूनी
अत्तर सुवासीक उटणी
नेत्री अंजन ग हिजला वाहू चंदन ।।२।।

पंचामृत घाली स्नाना
न्हेसवू भारी वसना
हळदी कूंकू सेंदूर अभीरा
घालू भुषणा ग हिजला वाहू चंदना ।।३।।

नेवेद्याची करती तयारी
जिलबी लाडू बासुंदी पुरी
धीवर मांडे मोदक खिरी
रीघ उरली ना ताटी, रीघ उरली ना ।।८।।

हाती चुड्या कंकण हाती
भिंती झळके भाला बग्ती
नथ कुड्या ही मोहन माळा
घालू भुषणा ग हिजला घालू भूषणा ।।५।।

इतुकी विनंती चरणासी
सौख्य देई सकल स्त्रियांशी
सौभाग्य अखंडीत राहो हीच प्रार्थना
ग आमुची हीच प्रार्थना ।।६।।

४. वावरगीतां :

सद्‌द्याक आमोणें गांवांत फकत 'दळप' आनी 'कांडप' अशे दोनच धंदे वावर करतना गीतां गायिल्लीं दिसतात. मात एका तेंपार बायलो शेतांत रोपतना, नडटना, लुवतना ही गीतां गायतालीं.

कांडटना गावपाचीं गीतां :

आमी भात कांडू
चौगाचे दाटयेचें
काणन पाटये आदळ्ळां !

आमी भात कांडू
काळ्या कळियांचें
मन भोळियाचें
देवा म्हाज्या !

अशेतरेचीं कांडटना गावपाचीं गीतां मेळटात.

दळटना गावपाचीं गीतां :

लग्न प्रसंगार दळटना गावपाचीं जायतीं गीतां आजय गांवांत मेळटात पूण नित्याचें दळप करतना गावपाचीं मात खुबच थोडीं गीतां आज घोळणूकेंत आसात. आज घरा दळपी बायलो गांवांत क्वचीत अश्यो पळोवपाक मेळटात. तांतूमदीं ज्यो घरा दळटात त्यो सगळ्योच गायतात अशें ना. केन्ना एकाद्र्या वेळार मनांत आसलें जाल्यार आनी दोग–तिगी जाणी दात्यार बसल्यो जाल्यार तांच्या तोंडांतल्यान एकाद्रें–दुसरें गीत आयकूंक मेळटा. देखीक :

मला गे विच्छा जाली
मला गे विच्छा जाली
करुल्या कांकणांची !

मला गे याद आली
मला गे याद आली
फाटिच्या बंदवाची !

इ. दादल्यांचीं गीतां :

आमोणें गांवांत दादल्यांचीं फकत नृत्यगीतांच वा नाचगीतांच मेळटात. तांचें शिगम्याचीं गीतां, धिंणल्याचीं गीतां, सोज्यांवाचीं गीतां आनी इंत्रूजाचीं गीतां अशें वर्गीकरण करुंक मेळटा.

हांतलीं 'शिगम्याचीं गीतां' आनी 'धिंणल्याचीं गीतां' हीं हिंदू समाजाचीं जाल्यार 'सोज्यावांचीं गीतां' आनी 'इंत्रूजाचीं गीतां' हीं किरिस्तांव समाजाचीं.

शिगम्याचीं गीतां :

शिगम्याच्या मेळाक गावपाच्या गीतांचे प्रकार अशे :

चौरंगी :

'चौरंगी' हीं शिगम्याच्या गीतांमदलीं मुखेल प्रकारचीं गीतां. शिगम्याच्या हेर गीतां परस हीं आकारान व्हड आसतात. रामायण, महाभारत, वा हेर पौराणीक कथानकां, गांवचीं देव–दैवतां, गांवचो इतिहास ह्या विशयांचेर मुखेलपणान हीं गीतां घडयल्लीं आसतात. मनरंजनापरस भक्तीभावनेक ह्या गीतांनी चड भर दिल्ली आसता. फाटल्या काळावयले सामाजिक परिस्थितीचें चित्रण करुनय कांय चौरंगी घडयल्ल्यो आसात. लोक–कथांनकांचेरय कांय चौरंगी आसात.

सद्द्याचे परिस्थितींत 'खुद्द आमोणें' आनी 'कटो वाडो' हांगाच्यो म्हण आमोणें गांवांत

पन्नासां वयर चौरंगी चलणुकेन आसात.

पुराण कथानकांचेर चौरंगी :

सगळयांत चड चौरंगी पुराण कथानकांचेर मेळटात.

लंकेचा रावण जोगी महात्मा झाला
कान फाटुनी त्याने घातले मुदरक मू.

बा

राम विचारी समत्रा प्रश्नी हो
लौकीचा विरुद्र झाला रे बंधो
रथ घेवुनी गरवीण शिता
अरण्य सोडा हो बंधो.

ह्या सारक्यो रामायणाचेर आदारीत चौरंगी गेळटात. तश्योच,

अस्तिनापुरा राज्या रे पांडव
राज्य करी बा,
कलीच्या पांयांनी पांडव
गेले वनवासा बा रावजे.

ह्या सारक्यो पांडवांच्या वनवासी जिणे–वयल्योय चौरंगी मेळटात. शिवाय **'श्रावणाम जलमास रे देवांनो आई–बाप झाले अंधक मू', 'हांडीर घागर बा डोक्यार चुंबळ मखु चालली पाणीयास बा रावजे', 'महादेव गेला शिकारेशी पार्वती ठेवी गुंफीत मू'** वा **'नळराजा सुंदर आहे पृथ्वीवर'** ह्योवय चौरंगी गांवच्या खेळयांच्या भोव आवडीच्यो. हेर खंयच्योय चौरंगी चुकून उरत पण ह्यो गावपाक ते विसरपार नात.

देव–देवतांचेर चौरंगी :

थळाव्या देव–देवतांचेर जायत्यो चौरंगी मेळटात. देखीक :

चैत्रमाशी हो शुध्द एकादशी
जात्रा भरली पांच दीस बा रावजे
जात्रा भरली पांच दीस मू.

वा

चला जावू पर्वताशी
बाप चंद्रेश्वर पाहू बा
करू कुशावती गंगेस्थान.

अशेतरेच्यो जायत्यो चौरंगी मेळटात. त्याशिवाय काशी, महाबळेश्वर, गोकर्ण, ह्या सारक्या तीर्थक्षेत्रांचें वर्णन करपीय चौरंगी मेळटात.

सामाजिक परिस्थितीचेर चौरंगी :

एका काळावयली समाजीक परिस्थिती, गांवां–गांवांमदले संबंद, लोकांचे वेवसाय, व्यंगां ह्या सगळ्यांचें जितें–जिवें पडबींब लोकगीतांनी दिसता. आमोणें गांवांत मेळपी एके चौरंगेंत फाटल्या काळावयली गांवची आनी शेजारच्या गांवची सामाजिक परिस्थिती कशी आशिल्ली हाचें बेस बरें चित्रण जालां. ती चौरंग अशी :

खांदार नांगोर भोकांत गोबोर
शेळडेकार देसाय बा रावजे,
शेळडेकार देसाय मू.

हातांत दोरी, पणसुलां चोरी
अवेडकार देसाय बा रावजे,
अवेडकार देसाय मू.

हातांत सत्री, पांयार धोत्री
असोळडेकार रावत बा रावजे,
असोळडेकार रावत मू.

हातांत कट्टी, भाटयेंत लोळपी
कोठंबकार देसाय बा रावजे,
कोठंबकार देसाय मू.

हातांत जाळी, मुंगटां गाळी
मेळवणकार फट्टे बा गावने,
मेळवणकार फट्टे मू.

हातांत नमनम, कानाक लिखणी
चंद्रवाडी नागोवन खाली बामणांनी बा गावने,
चंद्रवाडी नागोवन खाली बामणांनी.

चंद्रवाडी म्हालांतल्या देसायांच्या आनी बामणांच्या दुर्गुणांचेर [illegible] आमोणें गांवच्या जाण्टेल्यांनी हे चौरंगीत केला. आयची नव्या पिळगेंची [illegible] हे चौरंग म्हणपाक अनगनता. आयचे परिस्थितींत फाटल्या गजालींचो उल्लेख करून [illegible] परत विस्कटावप तांकां मान्य ना.

लोककथानकांचेर चौरंगी :

लोककथानकांचेरय जायत्यो चौरंगी मेळटात.

सात जाण बंधुची एक बहिण बा,
बहिणीने आळ केला रुमडाच्या फुला.

ही रुमडाच्या फुलाखातीर हट्ट करपी सात जाण भावांच्या अपुरबायेच्या एकट्या बहिणीच्या लोककथेचेर आदरीत चौरंग. अश्यो जायत्यो चौरंगी गांवांत आमात.

ताळ :

'ताळ' हो शिगम्याच्या गीतांचो आनी एक प्रकार. दर चौरंग ताळान [illegible]. ताळ हे दोन थंय चार वळींचें ल्हानशें कवनूल. दर चौरंगीचो आपलो असो खाशेलो ताळ आसता. त्या त्या चौरंगीचो सार ताच्या ताळांत भरिल्लो आसता. देखीक :

श्रावणास जलमास रे देवांनो,
आई—बाप झाले अंधक मूं

आपल्या कुड्ड्या आवय—बापायक कावडींत दवरून काशीयात्रेक घेवन वतल्या श्रावणाचो. उदक हाडपाक 'पाणुल्यार' गेल्लेकडेन, हरण समजून दशरथ राजाकडल्यान नकळटा कसो वध जाता, ह्या कथानकाचेर आदारीत ही चौरंग. हे चौरंगीचो ताळ फुडें दिला ते प्रमाण आसा:

सोड मामा बाण गा
जावूं द्या प्राण
मरते वेळी राम राम समरला !
चोय ! चोय !

चौरंगीचो खाशेलो ताळ म्हणल्या उपरांत, चौरंगीच्या कथानकाकडेन संबंद नाशिल्लेय ताळ म्हण्टात.

सोंश्याची गोप गो
करड काटी
यो यो मुंगसा
मध्यानी राती !
चोय ! चोय !

वा

मामीन चण्या रोस केला,
मामान तोप ल्हेवोन खाला !
चोय ! चोय !'

ह्या सारके ताळ नाचाक रंगत येवपाखातीर गायतात.

ताळ वळखुवपाची एक विशेश कुरु म्हणजे, ताळ 'चोय ! चोय !' ह्या उतरांनी सोंपता. ताळ गायतना खेळे आपले पद्न्यांस बदलून नाचाची गती वाडयतात. ह्या नाचाक 'तालगडी' अशेंय म्हण्टात.

दुलपदां :

चौरंगी गावचे पयलीं 'दुलपदां' गायतात. ताळांसारको दुलपदांचो चौरंगीकडेन संबंद नासता.

एकाद्र्याच्या आंगणांत पावता तेन्ना चौरंगी गावन मुखेल नृत्याक सुरवात करचे पयलीं खेळे वा खेळगडे हातांत 'रुमाल' वा 'ताळें' घेवन दारांतले तुळशीचो भोंवताडो काडून आडदांड आनी उडटो नाच नाचतात. ह्या नाचाच्या वेळार 'दुलपदां' म्हण्टात.

ताळांसारकें दुलपदय दोन–थंय चार वळींचें कवनूल. दुलपद 'शबै ! शबै !' हाणें सोंपता. गांवच्या देव–देवस्पणांचेर आनी पुराण–इतिहासाचेर जशीं दुलपदां आसात तशींच सामाजिक अंतरमनाचो थाव घेवपीय दुलपदां मेळटात.

पर्वताच्या डोंगरा
फुलोला मोगरा,
देवा तुज्या नगरा
उत्सव जाला !
शबै ! शबै !

हें दुलपद खेळे जशे गोठ्या भावार्थान म्हण्टात, तेचपरीन,

करडा सोंसो हिला रे,
सोंश्या बामण भिला रे !
शबै ! शबै !'

हें दुलपद गायतना तांच्या तोंडार एक अदृश्य समाधान पातळिल्लें दिसता.

कांय वेळार एकाद्रें कवनूल 'दुलपद' आनी 'ताळ' ह्या दोनींच्याय मधलें मेळटा दिसता.

तारयालें कोडें लागलें चिकला,
तारयो लिपला चिपातळा !

तळय–गीत :

तळयेचें गीत एकूच मेळटा आनी दर घराकडेन तें एकेच पध्दतीन गायतात.

तळयेचे दोन भाग जातात. जेन्ना खेळे घरचे घरकान्नीक तळय हाडपाक सांगतात तेन्ना गायतात :

तळय हाड बाय आसवत,
आयावपण नांदू तुजें सासवत !

जेन्ना घरची घरकान्न तळय घेवन येता तेन्ना म्हण्टात :

तळय हाडली, आयांनी
उखल्ली, खेळ्यांनी
तिचें घर भर रे सुरय तांदळांनी !

आरत–गीत :

तळयेसारकी आरतय बी सगळ्याक एकूच तरेन गायतात. आरतीचें गीतय एकच आसा. तें

अशें :

माया लावुंनी संवसार रचिला हो,
माया लावुंनी संवसार रचिला.

मागीर पांच दिसांचो देवांनी
शिगमो रचिला हो,
पांच दिसांचो देवांनी शिगमो रचिला !

अशेतरेन शिगम्याच्या मेळाचें वर्णन करीत आरत गायतात.

नमन–गीत :

कायं वर्सां आदी आमोणें गांवचे खेळे फाल्गून उमास जाली तशे मांडार खेळूंक लागताले. म्हणजे नाचांची येसाय मारताले. आठ–धा दीस सगळ्या प्रकारच्या नाचांचो सराव केल्ल्या उपरांत गांवच्या देव–देवतांक 'नमन' करुन ते चंद्रवाडींतल्या हेर गांवांनी खेळूंक वचपाक भायर सरताले.

ज्या दिसा नगन घालपाचें आसता त्या दिसा मांडार सगळ्या गीतांची आनी खेळांची उजळणी करतात. उपरांत देवांक नमन घालतात. सुरवात 'चांद–सुर्याक' नगन करुन जाता :

पयलें नमन घालूं चांद सुर्याक बा रावजे,
पयलें नमन घालूं चांद चांदसुर्याक !

एक एक करुन सगळ्या देव–देवतांचीं नांवां घेतल्या उपरांत खेळट्या गड्यांक आनी हातांतले तोणयेक लेगीत नमन घालतात. तरी लेगीत कोणय चुकून – माकून उरनये म्हण शेवटाक,

पयलें नमन घालूं चुकल्या माकल्या देवांक बा रावजे,
पयलें नमन घालूं चुकल्या माकल्या गड्यांक.

अशें नमन फकत 'शिगम्याच्या मांडारच' घालतात.

पयलीं 'नमन', मागीर 'दुलपद', उपरांत 'चौरंग', ते नंतर 'तळय' आनी शेवटाक 'आरत' अशी मांडणी शिगम्याच्या गीतांची जाता.

शिगम्याच्या सगळे तरेच्या गीतांची सुरवात 'असे' ह्या उतरान जाता. चौरंगींत तर 'बा', 'रावजे', 'मू' हीं उतरां परत परत येतात. 'चौरंग' एकटो गायता आनी हेर ताका साथ दितात.

'नमन' आनी 'आरत' हेच पध्दतीन गायतात माण्यार तुळशीक, ताळ आनी [illegible] [illegible] घुमटे वांगडी बरोबर गायतात.

धिंणल्याचीं गीतां :

दादल्यांच्या नृत्यगीतांचो आनीक एक प्रकार मेळटा तो म्हणटे 'धिंणल्याचीं गीतां'. हीं पूण समूह गायनाचोच प्रकार. धिंणलो घेवन दोग जाण नाचतात, वांगडा आशिल्ले सगळे जाण गीत म्हणून तांकां सांगात करतात.

धिंणल्याचीं गीतां आकारान ल्हान आसतात आनी 'गवळी', 'म्हातारी' हांकां धरून गुखेलपणान गुंफिल्लीं आसतात. शिवाय 'वाग', 'कीर', पिटोळी' ह्या सारक्या सवण्यां-मनजातींचो तांतूत उल्लेख आसता. ह्या गीतांचो शेवट 'गोपीका ! गोपीका !' ह्या उतरांनी जाता. देखीक :

धिंण धिंणुल्यो
रामा पावस शेणुल्यो
धिणल्याली म्हातारी
शेळें उन खाताली
गोपीका ! गोपीका !

सोज्यांवाचीं गीतां :

सोज्यांवाचे परबेक गावपाचीं कांय गीतां आसात. हीं गीतां आकारान ल्हान आनी खूब थोडीं आसात.

माथ्यार सोज्यांवाचें कपेल घालून हातांतले पिडे जमनीर आपटून, किरिस्तांव समाजांतले दादले वेग-वेगळे पंगड करतात आनी लोकांच्या दारां-दारांनी वचून गायनात :

सोज्यांव घुंवता तसो घुंवता,
आरे सोज्यांव पातोळ्यो मागोता !
व्हिवा सोज्यांव !

हें गीत म्हटल्या उपरांत आनीकय जायतीं गीतां म्हण्टात. तांतूत फुडलीं दोन गीतां चड चालंत आसात :

सोज्यांव, सोज्यांव वालीचो
केपें पाद्री धोलीचो !

हें, आनी फुडलें गीत :

हांव गेलेलो कोंग्यां,
तिंगा धोल्या म्हुगे दोंग्यां.
पाड पोडो त्या कोंग्याचें,
सोड म्हुज्या दोग्यांचें !

इंत्रुजाचीं गीतां :

आज गांवांत इंत्रूजाक अमुकच गीतां गावंक जाय असो नेम उल्लो ना, तरी पूण कांय पारंपारीक गीतां दरवर्सा उगडासान गायतात. देखीक :

हाड गो पाटें
माता गो खोरें
घेयाय माथ्यारी
एक एका माडामुळांत
व्हरुन माराय चार चारी !

वा

तुमी बाये नेण्टेलीं चेडवां
चोलाय झोराझोरी
वावर तुमगेलो
जावंदी भोरा भोरी

आमकां मेलो हो शापोदां सांगोता
बोसोन बांदारी
हो बुदवंत रुजारी !

हीं दोनय गीतां खरें तर मुळचीं वावर–गीतां. माडांक आळीं करतना वा माती काडटना हीं गीतां म्हण्टाले. (मुळाक हीं गीतां एका थळाव्या रेंदरान घडयल्ल्याचें सांगतात.) पूण तांचो आज धंयचो संबंद तुटून तीं इंत्रूजाच्या मेळांत पावल्यांत. ह्या गीतां शिवाय 'रेंदराचींय' कांय गीतां इंत्रूजाच्या मेळांत पावल्यांत. कांय वर्सां आदी गांवांत इंत्रूजाच्या वा पास्कांच्या फेस्ता निमतान

'जगनीवयले खेळ' जाताले. त्या वेळार त्या खेळांनी कांय गीतां म्हणटाले. [illegible] सगळ्या खेळांचें कथानक एकूच तरेचें आशिल्ल्यान तांतलीं गीतां चालंत उरालीं. आज गावांत 'खेळ' करपाचें बंद जालां पूण तांतलीं गीतां दुसऱ्या मेळांत भितर सरल्यांत.

खेळ सोंपोवपाचें पांरपारीक गीत अशें :

आयज दीस बोर्तोता
कडल्या (पास्कां) फेस्ताचो,
उगडास कोराय आमच्या खेळाचो
बोवाळ चोल्ला बोराचो
बावटो लागला गेर्राचो !

ई. जोड–गीतां

दादल्या – बायलांनी गावपाचीं जोड–गीतां फकत क्रिस्तांव समाजांतूच मेळटात. ह्या गीतांच्या प्रकाराक 'मांडो' म्हण्टात.

मांडो :

आज मांडो ज्या स्वरुपांत दिसता, ताचेवयल्यान ताका लोकगीत म्हण मानतात पूण मुळाक मांडो हें कांय धवाड्या लोकांनी बसून रचिल्लें एक लौकीक गीत. सुरवातेक मांडो हो चार वण्टीभितर आनी कांय थारावीक लोकांमदींच गायिल्लो मेळटा. इ. स. १८४० वर्सा बरयल्लो पयलो मांडो मेळिल्ल्याची नोंद मेळटा. पूण ते आदीय हो प्रकार लोकांमदीं आशिल्लो अशें मानतात.[१] आज मांडो पुराय तरेन भौसामदीं पावला.

काजाराच्या दुसऱ्यादिसा व्हंकलेगेर वतना मांडे गावपाची गांवांत चाल आसा. केन्नाक व खंयीय पयसुल्ल्या प्रवासाक वतना मांडे गायत वचपाची गांवांत चाल आशिल्ली.

मांड्याच्या शेवटाक 'दुलपद' गायतात. मांड्यांतल्यान मुखेलपणान मोगाची भावना व्यक्त जाता. मांड्याची गती मंद आसता जाल्यार दुलपदाक एक वेग आसता. पूर्विल्ल्या काळार मांड्याक घुमटाची साथ आसताली. आज नव्या प्रकारचीं संगीत वाद्यां मांडो गायनाक वापरतात.

गांवांत जायते पोरने मांडे मेळटात, तांतलो चड चालंत मांडो फुडलो :

तांबडे रोजाद तुजे पोले
दुकांनि भोत्ताय म्होजे दोळे
पापाचें लिसेंस आसोत तोर पळे
काजार जावंच्या तुजेकोडे.

पापाचें लिसेंस आसा रे म्हाका
काजार जावंच्या रावतां तुका
तूं काजार जायना तोर मोगा
म्होजी बिरमत फुट्टलि तुका.

पापान मायन काजार म्हाका केलें
सुखांतलें व्होरोन दुकांत घालें
सोगळे आंकवार चेडे एकठांय जावन
आदोरार म्हाका केलें.

दुलपदाची एक देख अशी :

आंगशेची काडून तारी
कोंब्यासादारी,
तिंगा एक भाकराबाब रेबेक वाजयता
बोसोन बांदारी.
या ऽ या ऽ मो ऽ या ऽऽ या ऽऽ !
या ऽ या ऽ मो ऽ या ऽ या ऽऽ !'

३. गीतकाणयो

जिबेवयल्या साहित्याच्या पद्यभागाचो, एक म्हत्वाचो भाग म्हणजे 'गीतकाणी'. गीतकाणी सांगपाची कला खूब थोड्यांकच लाबिल्ली आसता.

आमोणें गांवांत दर घरांत, एकतरी काणी सांगपी मनीस मेळटलोच पूण त्या सगळ्यांक गीतकाणयो सांगप शक्य जायना. गीतकाणयो सांगपी कांय थारावीकच लोक आसात.

पुराणकथांच्यो, राजा–राणयांच्यो, देव–देवतांच्यो, सुकणीं–सावदांच्यो आनी जादू–चमत्काराच्यो' अश्यो जायते तरेच्यो गीतकाणयो मेळटात.

आमोणें गांवांत दोन काणयो खूबच चालंत आसात : 'राजा चंद्रहास' आनी 'भाटीकार आनी दुबो'.

ह्या दोन काणयांचे सार अशें :

राजा चंद्रहास :

केर देशाच्या राजा राणयेचो 'दुष्टबुध्दी' नांवाचो नाचोय प्रधान कारस्थानान वध करता आनी आपूण राजा जाता. त्यावेळार तांच्या पुत्राक म्हणजे धाकट्ल्या बाळक 'चंद्रहासाक' वाचोवपाखातीर एक दासी ताका घेवन पळून दुसऱ्या राज्यांत वता. ती थंय मरता आनी बाळक रानांत एकटें उरता. थंय शिकारेक गेल्लो एक राजा पावता. ताका भुरगें बाळ नामता. तो चंद्रहासाक घेवन व्हरून व्हड करता. ताका 'कुंटलेश्वर' अशें नांव दवरता. अशेंतरेन खूब वर्सां वतात, चंद्रहास वाडून येता. त्यावेळार ताचो सांबाळ केल्ल्या राजाक दुष्टबुध्दीन आपली दुष्टबुध्द वापरून मांडलीक केल्लो आसता. ताका 'कर' घेवन येवपाखातीर दुष्टबुध्दी फर्मान सोडटा. तेन्ना चंद्रहास आपूण दुष्टबुध्दीक बुध्द शिकयतलो असो निश्चेव करून आपल्या आवय बापायकडल्यान (पोसकां) रजा घेवन आपलो भेस बदलून केर देशांत वचपाखातीर वता. त्यावेळार, आपली कन्या 'विषया' व्हडली आयिल्ल्याचें लक्षांत येवन तिचेखातीर फावो असो 'वर' सोदपाक दुष्टबुध्दी भायर सरिल्लो आसता. ताची आनी चंद्रहासाची वाटेर भेट जाता. चंद्रहास ताका वळखना आनी सहजपणान आपली जल्मकाणी सांगता. ताच्या राजघराण्याची खूण जो एक 'शाळीग्राम' आसता आनी दासी घेवन वतना ताचेबरोबर ते दासयेन व्हेल्लो आसता, तो शाळीग्राम ह्यावेळार चंद्रहासाकडेन आसता. दुष्टबुध्दी ताका वळखता आनी ताका मारपाच्या हेतून ताचेकडेन एक बंद लाखाटो दिता आनी तो लाखाटो केर देशाच्या राजपुत्राक म्हणजे आपल्या पुताक 'मदनाक' दिवपाखातीर सांगता. तातूंत तो 'हो लाखाटो घेवन येतल्याक विष दी' अशें बरयता. खूब दिसांचो प्रवास करून चंद्रहास जेन्ना केर देशाचे राजधानींत पावता तेन्ना ताका खूब पुरो जाता, तानेन ताचो ताळो सुकता. तो एके बागेंतल्या तळ्याचें उदक पिता आनी विसव घेवपाखातीर तळ्याचे धडेरच आड पडटा. थंयच ताका दोळो लागता. ते बागेंत दुष्टबुध्दीची कन्या आपल्या इश्टीणींबरोबर फुलां पुंजावपाक आयिल्ली आसता. तिचें चंद्रहासाचेर लक्ष वता. ताचें राजबिंडें रूप पळोवन ती ताचेर भाळटा. हळूच, पावलट वाजयनासतना ती चंद्रहासाच्या म्हऱ्यांत वता. थंय तिका ताच्या हातांतलो तो लाखाटो दिसता. ती तांतलें पत्र काडून वाचता. पत्रांत आपल्या बापायन, आपल्या भावाक बरयल्ललो निरोप तिका समजता. पूण ती चंद्रहासाचेर भाळिल्ली आसता. ती हळूच आपल्या दोळ्यांतलें काजळ काडटा आनी 'विष' ह्या उतरामुखार 'या' बरोवन 'विषया दी' अशें करता आनी घरा वता. जेन्ना पत्र घेवन चंद्रहास मदना म्हऱ्यांत वता तेन्ना ताका दिसता, बापायन आपले भयणीक हो 'वर' सोदला म्हण. बापूय येवंचे पयलीं तो भयणीचें लग्न चंद्रहासाकडेन थाटा–माटान लावन दिता. दुष्टबुध्दीक

जेन्ना हें कळटा तेन्ना तो रागान खुबळटा आनी चंद्रहासाक मारपाचो आनीक एक कट करता. त्या राज्यांतले चालीप्रमाण नवें लग्न जाल्ल्या जोडप्यान उमाशे दिसा मध्यान रात्री देवीकडीचे भेटेक वचपाचें आसता. वाजप–गाजप घेवन चंद्रहासय आपले राणयेबरोबर देवळांत वता. देवळांत दुष्टबुध्दी चंद्रहासाक मारपाखातीर लिपून बशिल्लो आसता. पूण चंद्रहासाक ताची कल्पना आसता कारण आता तो दृष्टबुध्दीक वळखल्लो आसता. आपल्याचेर वार करचे पयलींच आपल्या कमराची तलवार काडून तो दुष्टबुध्दीचो हातच उडयता. बरोबर गेल्ल्या सगळ्या लोकांक दृष्टबुध्दीचीं काळीं कर्तुबां समजतात. चंद्रहास मागीर लोकांक आपूण राज्याचो खरो वारस आशिल्ल्याची वळख दिता. लोक ताचो जयजयकार करतात. उपरांत चंद्रहास मदनाक प्रधान करता आनी दृष्टबुध्दीक बंदखणीची ख्यास्त दिता. आपले बायलेक पट्टराणी करून सुखान राज्य चलयता.

भोळी गाय आनी दुबो :

'भोळी' नांवाची एक गाय आसता, तिचो 'दुबो' नांवाचो एक पूत (पाडो) आसता. आवय–पुताचो एकमेकांचेर खूब जीव आसता. एकदां देव तांची परीक्षा घेवपाचें थारायता. रानांत चरपाक गेल्लेकडेन तो एका वागाचें रुप घेवन भोळयेचेर झोपय घालता. त्यावेळार भोळी ताका विनयता, आपलो पूत घरा भुकेल्लो आसा ताका पानो दिता, दोन गिन्यानांच्यो गजाली सांगता आनी परती येता, मागीर आपल्याक खा. वाग तिका विचारता, ''तूं परती येतली म्हणपाचो कितें भरवंसो?'' त्यावेळार,

पयली आण दिली तिणें
चांद–सुर्याची,
दुसरी आण दिली तिणें
भुमी मातेची,
––––––––––––––
––––––––––––––
पांचवी आण दिली तिणें
घरच्या दुब्याची !

दुब्याचो सोपूद आसा म्हण्टकच वाग तिका वचपाक दिता. आपल्या फाटल्यान ह्या संवसारांत आपलो पूत एकटो उरतलो म्हणपाचे चिंतून ती खूब दुखी जाल्ली आसता. दुब्याक दूद दितना तिच्या दोळ्यांतल्यान सरसरीत दुकां गळटात. दुबो तिका कितें जालें कांय म्हण विचारता. तेन्ना भोळी ताका सगळी गजाल सांगता आनी आपल्या फाटल्यान ह्या संवसारांत एकटो जगपाखातीर चार गिन्यानांच्यो गजाली शिकयता आनी दिल्ल्या उतराक पाळो दिवपाखातीर रानांत वता. आवयच्या

फाटोफाट तिका काळ्ंक विनायतना दुबोय गलांत बना. गलांत [illegible] [illegible] [illegible] [illegible] दवरचे पयलींच तो आपली गान गुमार करता आनी म्हणटा,

आगा आगा बांगा
म्हाजी माया राखावी !

आवय पुताचो एकामेकांवयलो मोग पळोवन देव प्रसन्न जाता आनी आपलें खरें रूप परगटावन तो म्हणटा,

भोळी म्हाजी भयण
काय दुबा म्हाजा भाचा !

४. लोकम्हाकाव्य

आमोणें गांवांत 'बनवड' नांवाचो लोकम्हाकाव्याचो एक प्रकार मेळटा.

बनवड :

बाराव्याक, वर्सश्राध्दाक वा म्हाळ म्हयन्यांत घरांत 'बनवड' गावन घेवपाची आमोणें गांवांत चाल आसा. बनवड गावपी गांवांत नात. शेजारच्या काकोडें गांवच्या गावप्यांक आपोवन तीं गावन घेतात.

बनवडींत दोनतरेचे 'शेवड' आसतात. 'रामा–शेवड' (रामायणाचे कथानक) आनी 'पांडवां–शेवड' (महाभारताचें कथानक). घरच्यांचे इत्सेप्रमाण जाय तो शेवड लायतात (गायतात).

गावपी गायता गायता, कथानकांतल्या पितरांकडेन व्हरून गायन थांबयता आनी मागीर त्या पितरांक होरायता, होरायता 'घरकाराच्या पितरांक' आपयता. मागीर घरकाराचे पितर जाल्ल्या मदल्या आपल्याक प्रिय आशिल्ल्या कोणाय व्यक्तीच्या 'आंगार येवन' आपल्यो इत्ला–मात्ल्यो सांगता. दादलो बायलेच्या आंगार येत जाल्यार ती 'विडी–शिगार' घेवन वोडटा. एकाद्री बायल दादल्याचेर येत तर तो दादलो 'कुकूम–फुलां' घेवन माळटा.

बनवडीचें गायन पांच ते स वरां थांबनासतना चलता. एकदां गायनाक सुरवात जाली

म्हण्टकच गावप्यान वा आयकुवप्यान कोणेंच मदीं उठूंक जायना. तशेंच त्या जाग्यार कसलेंच भश्टपण जावूंक जायना. बनवडीक घुमट–कांसाळ्यांचें संगीत आसता. मुखेल गायकाक दोग जाण तरी वांगडा साथ दिवपाक लागतात.

बनवड गावपाक सुरवात करचे पयलीं थंय नाल्ल–पड आनी वात पेटोवन दवरपाची आसता. ती नाल्ल–पड मागीर गावप्यान व्हरपाची.

टीप :

प्रकरण : ६ (आ)

१– Souvenir : Lok sahitya Parishad, Fifth conference, 4th to 6th Jan. 1985.

इ. हेर प्रकार

१. म्हणी

आमोणें गांवांत आजय लोकांचे जिबेर आनी ओंठार 'म्हणी' घोळटना दिसतात. जावं जाण्टे जावं नेण्टे आपले नित्याचे जिणेंत, आपल्या उलोवपांत समर्पक अशा म्हणींचो वापर केल्याशिवाय तांकां आपल्या उलोवण्याक वजन आयलां अशें दिसचना.

एकाद्र्या संकलकाक आमोणें गांवांत सहजपणान ६००–७०० म्हणी एकठांय करप शक्य आसा. म्हणीक 'ओपार' वा 'आणि' अशेंय म्हण्टात. 'आदगत' हेंवय उतर म्हणीक पर्याय म्हण वापरिल्लें मेळटा.

गांवांत मेळपी कांय म्हणी घेवन, मनशाच्या सभावविशेशांप्रमाण तांचें फुडल्याप्रमाण वर्गीकरण करूंक मेळटा :

संदीसादूपणा :

कांय म्हणी मनशाचो संदीसादूपणा दाखोवन दिवपी आसात. देखीक :

– भटाक दिली वसरी, भट हातपांय पसरी.
– बोट घालूंक दिल्यार हात रिगोवंक सोदता.

आळशीपणा :

थोडयो म्हणी मनशाच्या आळशीपणाचेर उजवाड घालतात, देखीक

– आळशी उठूंक शिंबरो शिंकलो.
– आळश्या, भिकणां भाज रे, हरवींच गोड लागतात.
– आलेसा, ताण रे व्होडें,
  हांव सायबा भुरगो मुगा !
  आलेसा, जेवपा यो रे,
  हांव सायबा जाण्टो मुगा !

निर्लज्जपणा :

मनशाचो निर्लज्ज सभावय म्हणींतल्यान उगडो जाता. देखीक :

– रांडे म्हणात ना जाल्यार मुंडे म्हणात, पूण पोटभर वाडात.
– शी सुण्या लज ना, काल उलयल्लें आज ना.

चामटेपणा :

चामटो सभावय दाखोवन दिवपी म्हणी आसात. देखीक :

– दाव्यार मेल्यार जाता, दाना दिवपार ना.
– चामडी दीत पूण दमडी दिवपार ना.

उर्मटपणा :

''पोट भरतकच गांड शिळोण घालता'' ह्या सारक्यो म्हणी मनशाचो उर्मट सभाव दाखोवन दितात.

बळ :

कांय म्हणी बळाच्योय आसात. देखीक :

– उरफाट्या बळ आनी कवडी धांपून पळ.
– बळी तो कान पिळी.

मोग :

मोगाविशीच्योय म्हणी आसात :

– मोग आसल्यार हुनहुनीत भाकरी घांटार पावता.
– मोगाक दोळे नात.

मुर्खपणा :

मनशाचीं मुर्खपणाय म्हणींनी दिसतात :

– कान फूंक म्हळ्यार वान फुंकता.
– अती शाणो ताचो बैल रिकामो.
– शाणो तिनकडेन घाणयता.

बडाय :

कांय जाणांक पोक्यो फुशारक्यो वा बडायो मारपाची संवय आसा. त्या संबंदान कांय म्हणी अश्यो :

– नडणी कशीय जावूं, कंड्डो बरो हालता.
– सांजे ना तीन तांदूळ, सान्नां उकडपा भोंवता रांडूल.

अपयश :

कांय वेळा कितलेय कश्ट करुं वा प्रयत्न करुं, वांट्याक येवपाचें अपयश चुकना. मागीर मनीस आपल्या नशीबाक वा दैवाक दोश दिता. ह्या विशीय म्हणी आसात. देखीक :

– पापी बता थंय पावल भर उदक.
– दोळयाऱ्या तकलेंत तीन फातर

वांशीक दायज :

वंशपरंपरेन [illegible], [illegible]
देखीक :

– बीं तशें भात.
– कुकडा पिलाक कोणें उस्नूंक शिकोवंक नाका.

नक्कल :

आपले परस जे व्हड आसतात, तांची [illegible]

– फुडलें जोत वता, तशें फाटलें जोत वता.

धूर्त सभाव :

कांय मनीस सभावान धूर्त आसतात. तांचो [illegible]
कळनात. हें दाखोवन दिवपीय म्हणी आसात. देखीक .

– मडवळा मडें भायर काडल्याशिवाय कळना.
– पाद करी नाद आनी फुस्की तिर्मुवाद.

फसगत :

दिसपट्ट्या वेव्हारांत वांट्याक येवपी फसगतय म्हणींनी [illegible] देखीक .

– लग्नय ना आनी फोतय ना.
– बाप्पाय ना आनी पुडवेंय ना.

गर्व :

गर्व दाखोवपीय म्हणी आसात :

– गर्वाचें घर सदांच सकयल.

आपस्तुती :

– खेतें आपलेच गांडीक तोखेता.

दुबळेंपण :

– घोवान मारल्यार आनी पावसान भिजयल्यार कोणाक सांगतली ?
– मोव थंय कोणय खणटा.

नसाय :

– उजवो हात दाव्या हातीक नसाय.
– शेजाऱ्यालो कोंबो सदांच मोठो.

सुवार्थ :

– देवा धर्माचें घर आनी बोडक्या रांडला भायर सर.

भिरांत :

– चोरा मनांत चान्नें.
– कर ना ताका भंय कसलो ?

राग :

- अतीराग भीक माग.
- राग गेल्यार दाग वता ?

२. वाक्प्रचार

जिबेवयल्या साहित्याचो हो प्रकार वयर वयर [illegible], [illegible] बारीकसाणेन अभ्यास करताल्याक तो वेगळो [illegible].

आमोणें गांवांत जायते वाक्प्रचार प्रचारांत आशिल्ले मेळटात. [illegible]

- पोटार मारप
- एका फांतरान दोन शेवणीं मारप.
- बोंबलीभर उदकांत रावन सुकी काश्टी दाम्बोवप.
- काश्टी भिजयनासतना थिगूर खावप.
- हातावयल्या हातार बासप.
- हांयस काडून वागा तोंडांत दिवप.
- एका बोटावयली थुंकी दुसऱ्या बोटार करप.
- गुंवांतलो चिंचारो धुवन खावप.
- आंवाळो दिवन कुंवाळो सोदप.
- गू लासून धुकोट घेवप.
- आंवाळेर रावन धुकोट पळोवप.
- हुंदरा रागान घराक उजो घालप.
- शिता फुडें मीठ खावप.
- बोला - फुलाक गांठ पडप.
- चण्या रोसाक विकप.
- कुंड्यार शिजप.
- दंवार पिकप.
- वारो येता तशें सूप धरप.
- धोडावन पणस पिकोवप.
- सुक्यो बडयो धोडावन रोस काडप.

– म्हातारी कुळकुळप.
– पोटांत कावळे रडप.
– दोळ्यार करपां येवप.
– हाताक कांटे लागप.
– हातांत कट्टी घेवप.
– कपलाक मिरी लागूंक दिवप ना.
– केंस धवे जावप.
– जोतीं झरोवप.
– वेळे हाडून वेळे खावप
– दूद आटप.
– काळीज तुटप.
– आंतां–पिंतां वयर काडप.
– आलां–किलां वयर काडप.
– शेम्याआंगडी धांवडावप.
– घटबंदे पडप.
– म्हाळ पैलें काण.

३. उमाणीं

ह्या प्रकारांत उलोवपी आपल्या प्रतिस्पर्ध्याची वा मुखावयल्या मनशाची बुध्दीमता पारखुवपाखातीर वा हारोवपाखातीर सैमीक वा हेरतरेचीं प्रतीकां घेवन एका प्रश्न मांडटा. प्रश्नाची जापय ताचेकडेन तयार आसता. उमाण्याक 'कुवाडें' अशेंय म्हण्टात. किरिस्तांव सगाजांत 'पारखणें' हें उतर चड चालंत आसा. उमाणें घालप हो गांवच्या भुरग्यांच्या आवडीचो एक खेळ जावन आसा, तशोच जाण्ट्यांचो तो एक भोव उगेदीचो छंद जाल्लो आसा.

एका तेंपार गांवचे जाण्टेले रातचें जेवन–खावन जालें तशे गांवच्या मांडार वा कोणायल्याय आंगणांत जगताले. दिसभराच्यो गजाली थंय रंगताल्यो. ह्या रंगांत एकाद्रें उमाणें भर घालतालें. एक एक उमाणें इतकें कठीण आसतालें की ताची जाप सोदतां सोदतां फातोड जाताली. मागीर तें उमाणें तकलेंत घेवन ते तशेच घरा वताले. दुसऱ्या दिसा काम करतना त्या प्रश्नाची जाप सोदतां म्हणसर, दिसभराच्या कश्टांचेंय तांकां भान उरनाशिल्लें. आज अशेतरेचें चित्र गांवांत दिसप भोव कठीण. तरी पूण एकाद्र्या वेळार सहज गजालींक म्हण चार–चौग जाण एक जाल्यार एक तरी उमाणें तांचेमदीं उबें जाताच. गांवांत आजय एकाद्री आज्जी वा आजो 'उमाणें' घालून आपल्या नातरांचीं बुध्द पारखिताना दिश्टी पडटा.

उभाण्याच्यो कांय देखी अश्यो :

– आरे मोरा, तांतयां पाल बारा,
  स सुकीं, स वोलीं.
  (गीम आनी पावस)

– न्हावन धुवन भायर मरली मोयरी आयल्यो म्हण भिनर गेली.
  (कुल्ली)

– इगडी बिगडी तिकडी था,
  तीन तकल्यो पांय धा.
  (जोत)

– इनशी बायले तिनशी दोळे.
  (अनस)

– खुट्ट खुबो, दारांत उबो,
  तीन दोळ्यांचो मांव तुजो.
  (नाल्ल)

– न्हंयचे धडेर कावळो मेला,
  सगळ्या लोकांक सुतक जाला.
  (गीराण)

– राजा जेयता, कोंबो चोयता.
  (दिवो)

४. उखाणे

लग्न–कार्यांत जायत्या प्रसंगांनी बायलेन आपल्या घोवाचें 'नांव घेवपाची' चाल आसा.

घोवानय बायलेचें नांव घेवपाचें आसता पूण अशे प्रसंग कमी. हीं नांवां काव्यात गुंथून घेतात. ह्या 'नांव घेवपाक' उखाणो अशे म्हण्टात.

पूर्वील्ल्या काळार आताच्या सारकें घोव–बायल एकमेकांक नांवान उलो मारनाशिल्लीं, एकमेकांचें नांवय केन्ना घेनाशिल्लीं. 'आगगेली', 'आमगेर', 'हे', 'हीं', 'भुरग्यांली आवय', 'भुरग्यांलो बापूय' अशेतरेन एकमेकाचो उल्लेख करतालीं. त्यावेळार ह्या उखाण्याक खरो अर्थ आशिल्लो. लजत–मुरडत नांव घेवपी बायलेक (दादल्याक) पळोवपाक मजा येताली.

महाराष्ट्रांतय ह्या प्रकाराक 'उखाणा' अशे म्हण्टात.

आमोणे गांवांत धालांच्या मांडार निमाण्या दिसा मांड सोपोवपाच्या वेळार, बायलांनी आपल्या घोवांची 'नांवां' घेवन 'तिळो' घेवपाची चाल आसा.

पर्वता दोंगरार फुल्ल्या पत्री
आनी (शंकराच्या) हातीं मोतयांची सत्री !

वा

पोल्या पणसा पांक चड
आनी (विठ्ठला) राग चड !

हीं दोन उगाणीं गांवच्या बायलांचे भोव आवडिचीं. जाण्टेल्यो बायलो तर कितक्या तरी वर्सांसावून ह्या दोनच उमाण्यांक दमून आशिल्लीं दिसतात. शारांतल्यान नव्यान गांवांत आयिल्ल्या ज्या सुनांक उमाण्यांची बी कल्पना नासता, तांच्याग आदाराक हीं उमाणी धावन येतात.

धालांच्या मांडार केन्ना केन्ना आकवार चलयाकय नांव घेवपाखातीर आग्रो करतात, पूण त्यो कोणाचें नांव घेतल्यो ? मागीर त्यो फुडले तरेन नांव घेतात :

कुरकुटांत थेयल्यांत फोव
आनी येतात वयतात ते म्हाजे घोव. !

५. हांसोवणीं

पारंपारीक रितीन चलत आयिल्लीं जायतीं हांसोवणीं गांवांत आसात. देखीक :

एका भटाक तीग जाणी बायलो आशिल्ल्यो. त्यो तिगीय 'चोंचऱ्यो' उलयताल्यो देखून भट तांकां तिगांकय कोणाय सोयऱ्या वा परक्या मुखार येवंक वा उलोवंक दिनाशिल्लो. एकदां व्हडलेन

घोवाचे फाटीक लागून आपल्याक 'गळसरी' करून घेतली, तेन्ना दुसरेन आपल्याक घांगराचो 'दान' करून घेतलो, तिसरेन गांगीर आपल्याक 'पाटली' करून घेतली. एक दीस सगळ्यो एक जागार आयल्यो. आपल्यो तिगीय बायलो चोंचयो हैं ताका कळनाय म्हण घट ताका पडचेरय बसोवन गजाली करूंक लागल्यो. पूण घटाच्या तिगाय बायल्याक त्या भोग्याक आपली भायर दाखोवपाची कूय आयली. पयली पयलीं पडवेर गेली आनी भोगयानुसार अंगांत घालून गळसरीची गळसरी हेवाटेन तेवाटेन हालयत म्हुणूंक लागली, "सागन कोंने (सांगन कोंण), सागन कोंने ?" इतल्यान दुसरी भायर आयली आनी आपलो घांगराचो दान दाखयत म्हुणूंक लागली, "हीस्स मुगे ! हीस्स मुगे !" येदोळ म्हणसर तिसरी थंय पावली. ती आपली हात हालयत म्हुणपाक हातांतली पाटली हालयत म्हुणूंक लागली, "इंगा ना तिंगा ! इंगा ना तिंगा !"



रादंपाक कळनासतना, पोकच्यो फुशारक्यो मारपी बायलांचेर आयली हांसोवपी म्हणण देखीक :

एके बायलेक वडे करपाक येनाशिल्ले पूण आपल्याक कळना म्हण सांगपाक ती तयार नाशिल्ली. एक दीस कसली तरी परब आशिल्ली आनी "आज वडे कर" अशें सांगून घोव कामाक गेल्लो. तिचेर आयलो अकांत. कळनाय म्हण सांगपाक लज आनी करचे कशे म्हण तें कळनासलें. ती बरो वेळ वग्गी बसली, आवय घराकडेन कशे वडे करतालीं ताची तिका याद केली, तिका तातूंतली गात्शी याद जावपाक लागली. तशी ती उठली. तिणे पीठ कालयलें. मुटलो करून पत्रुटो घेवन वडे कातरले. उजो करून रांदनीर लोखणे दवरलें. तांतूत तेल घालें आनी एक वडो तिणे तेलांत सोडलो. पूण वडो कसोच फुलना. तिणे एक सोडलो, दोन सोडले.... वडे कसोच फुलनात. तिका आपलें कितें चुकलें तेंच कळना जालें. बऱ्या वेळान बेजारून ती उठली आनी शेजाऱ्यांच्या रांदचे कुडीच्या जनेलाकडेन गेली, हळूच बागवून तिणे भितर पळयलें. पळयल्यान शेजारीण वडे तळटाली, वडे बरे फुलून येताले. तें पळोवन तिचे तकलेंत उजवाड पडलो. "अरेच्चा ! इतको तेप म्हाका खबरच ना ! बोडकी आसल्यार वडे बरे फुलून येनात तर !" ती धांवच्यान उठली आनी म्हाल्यागेर गेली, आपले लांब केंस कापून बोडकी जावन घरा आयली. येवन वडे तळ्ल्यार लोखण्यांतले वडे गरगरीत फुल्यांत. "पळयलें, हांव बोडकी जातनाच वडे कशे फुल्ले ते !" मागीर सगळे वडे तळून ती घोवाची वाट पळयत बसली. दनपरां घोव घरा येतकच कांय तेन्ना पयलीं बायलेक वळखलोच ना. जेन्ना बायलेन ताका आपलो पराक्रम सांगलो तेन्ना ताणे कपलार हात मारून घेतलो.

७

लोककला

गांवच्या लोककलांची परिस्थिती आज आदलेभाशेन उल्लीना. आज लोककलांच्या नावांखाला जें पळोवंक मेळटा, तें खरें ह्या लोककलांचें अवशेशरूप. नव्या युगांतले नवे यंत्रणेची आनी मनरंजन साधनांची झळ आज आमोणें गांवाकय बादल्या. एकातेंपार कुशळतायेन आनी कलात्मकतेन आपल्या कलांनी जीव वोतपी कलाकारांच्याय मतीन वर्साची भोगावळ वा एक धार्मिक बंदन ह्या शिवाय ह्या कलांक आज वेगळो अर्थ उरिल्लो ना.

'सादर करपाक मेळनात' आनी 'सादर करपाक मेळटात' अश्यो दोनतरेच्यो लोककला गांवांत मेळटात. ह्यो दोनयतरेच्यो कला 'वेवसायीक' आनी 'हौशी' अशा दोन प्रकारच्या कलाकारांकडेन मेळटात.

पूर्विल्ले ग्रामवेवस्थेंत आनी राजा–महाराजांच्या आश्रयाखाला वेवसायीक कलाकारांक मानाची सुवात आशिल्ली. आपले कलेच्या नाड्यारच तांचो संवसार चलतालो. आज फकत आपले कलेच्या खुस्तार पोट भरप ह्या कलाकारांक शक्य ना, देखून आज तांच्या वंशजांनी वेग–वेगळे वेवसाय आनी काम–धंदे आपणायल्यात. कांय जाणांनी आपली जाण्टेल्यांची कला सांबाळून दवरपाखातीर थोडी–भोव धडपड चलयल्या तरीपूण तांतूत पयलीचें कसब उल्लेंना. हौशी कलांचीय स्थिती आज वेवसायीक कलांपरस वेगळी ना. गांवांतल्या थारावीक परबां–उत्सवां वेळार गांवचे लोक फकत फाटली परंपरा वा एक भोगावळ म्हण त्यो आज सादर करतना दिसतात.

सादर करपाक मेळना अश्यो लोककला :

आजूनय गांवांत तड मारून आशिल्ल्यो, सादर करपाक मेळना अश्यो लोककला फुडें दिल्यात ते प्रमाण आसात :

वेवसायीक लोककला

कुमारवत करप, म्हारवत करप, अळंकार घडोवप, लाकडाच्यो वस्ती तयार करप, लोंखणाचीं आवतां – आयदनां करप आनी हेर.

हौशी लोककला

रांगोळी घालप, चितारप, भरप, विणप, गोजड्यो–कपयांळीं करप, शिवणकाम करप, माळी, फांतयो, तुरे, हळयो, झेले, साळीक अशे तरेकवारपध्दतीन फुलां गुंथप, वाती–जोडवीं करप, मुर्त्यो करप, माडाचे चुडटेपासून पिल्लुको, आयणे, गिरगिरी, तोपयो, शेंदऱ्यो बी करप, तणाच्या

लन्यापासून पिसोण्यो, तोपयो, वालयो, पेटारे, खेळणीं [illegible] करप, [illegible] काम, [illegible] गाडापासून शेंड्यो करप, अश्यो जायते तरेच्यो हौशी लोककला गांवांत मेळटाल्यो.

सादर करपाक मेळटा अश्यो लोककला :

लोकगीतां गायतनां, काणयो सांगतनां वा उमाणीं घालतनां प्रेक्षक सादरीकरण [illegible] देखून तांचो आस्वाद सादरीकरणांच्या लोककलांनी जावंक जाय अशें आयच्या नव्या पिढेच्या लोककेद विद्वानांचें मत आसा. तरी पूण सर्वसादारणपणान लोककलांचें वर्गीकरण करतना [illegible] चार तरेच्या कलांचेंच नांव घेतात :

अ) लोकनाच
आ) लोकनाटक
इ) लोक संगीत
ई) लोकखेळ

अ. लोकनाच

हिंदू समाजाचे नाच

आमोणें गांवांत हिंदू समाजाचे जितले लोकनाच मेळटात तितलेच धर्माकडेन संबंदीत आसात. थारावीक उत्सव आनी परबांच्या वेळार ते नाचपाचे आमतात. कांय लोकनाच बायलांचे मेळटात जाल्यार कांय दादल्यांचे आसात. एकय जोडनाच ना.

बायलांचे नाच :

'वेवसायीक' आनी 'हौशी' अशा दोन स्वरूपांत बायलांचे नाच मेळटात.

वेवसायीक कलाकारांचे नाच :

कलवंतांचो नाच :

'कलवंतांचो नाच' हो वेवसायीक कलाकारांचो एकूच नाच गांवांत आशिल्लो. कलवंत जातीच्या बायलांनी देवाचे पालखेमुखार नाचपाची चाल एकातेंपार गोंयांत आशिल्ली. कांय आडवाद सोडले जाल्यार ही चाल आज पुरायतरेन बंद पडल्या.

आमोणें गांवाकडेन संबंदीत आनी पर्वतार रावपी कलवंत जातीच्यो बायलो एकातेंपार चंद्रेश्वराचे पालकेमुखार नाचताल्यो. हातांच्या हाव–भावांचेर आनी पायांच्या ठेक्यांचेर हो नाच जातालो. ह्या नाचाक धोलकें आनी शेनायेची साथ आसताली. गांवच्या मानेस्तांच्या घराकडेन्च

बऱ्या कार्याक नाच–गायन करपाखातीर तांकां आपयताले.

'कलवंताचो नाच' जसो लोकनाचांत मोडटा तशें तांचें संगीतय पयलीं लोकसंगीताचेरूच आदारून आशिल्लें. उपरांत कांय जाणांनी शास्त्रीय संगीताची साधना केली. सर्गेस्त श्रीमती वत्सलाबाय पर्वतकार हिणें तर शास्त्रीय संगीताचे साधनेक लागून गोंयांत तशीच गोंयभायरय नामना मेळयली.

हौशी कलाकारांचो नाच :

'धालो' आनी 'फुगडी' हे दोन नाच हौस म्हण गांवच्यो बायलो नाचतना दिसतात.

धालो :

धालांचो उत्सव पौष म्हयन्यांत जाता. पौष म्हयन्यांतल्या खंयच्याय एका आयताराक रातच्यो गांवच्यो बायलो मांडार जमतात. भट–बामण सोडून हेर सगळ्या जातींच्यो बायलो आसतात. एकातेंपार कटोवाड्याच्यो आनी खुद्द आमोणेच्यो 'धालो' एक आशिल्ल्यो. आज त्यो वेगळ्यो जाल्यात. धालांच्या नाचांत सवायशीणी–आंकवार–विधवा कोणेंय भाग घेवंक जाता.

खेळपाक (नाचपाक) लागतात त्या दिसा मांड सारोवन अनवाळो करतात. एकदां मांड अनवाळो केलो म्हणटकच थंय कसलेंच भश्टपण जावंक जायना अशें मानतात. खेळूंक लागतकच जर मदींच 'गांवकान्नीक' सुयेर–सुतक जायत तर तें निवळसर 'मांड दवरूंक' मेळना. मागीर तितलेय दीस दुसऱ्या बायलांनी मांड जागोवचो पडटा.

धालो नाचतना बायलो दोन पंगड करतात. दर एका पंगडांतल्यो बायलो एकमेकांच्या कमराक हातांचो वेटाळो घालून दोन 'रेगो' (वळी) करतात. ह्यो रेगो मांडार एकमेकांच्या समोरासमोर उब्यो रावतात.

धालांचो नाच नाचतना हातांच्यो हालचाली जायनात, ते धरिल्ले तशेच उरतात. मात धालांची कांय थारावीक गीतां गायतना बोटांत–बोटां गुंथून हात फाटी फुडे नाचयतात. धालांचो चडसो नाच पांयांच्या ठेक्यांचेरूच आदारिल्लो आसता. धालो नाचतना, एक रेग एकातालान आनी एकासुरान गीताचें एक कडवें म्हणत, नाचत दुसऱ्या रेगे म्हऱ्यांत येता आनी मदलें अंतर सांबाळून परती वता. तिच्या प्रश्नाची जाप घेवन मागीर दुसरी रेग पयले रेगे म्हऱ्यांत तेच पध्दतीन नाचत येवन वता. परत पयली रेग दुसरे रेगे म्हऱ्यांत येता ––––, अशे रितीन रातभर हो नाच चलता. गीतां फाटल्यान गीतां गायतात. जल्मी, खुंटी, सांतेर, धर्तरीमाया, तुळशीमाया, भैरांव, चंद्रेश्वर–भूतनाथ, मांडागुरू, ब्राह्मो अशीं गांवच्या सगळ्या देव–दैवतांची आनी सैम, गांवच्यो जाती–जमाती, मांडार जमिल्ल्या बायलांचीं नांवां बी घेवन शेकडयांनी वर्सां साकून चलणुकेंत आशिल्ल्या गीतांची वर्साक एकदां मांडार उजळणी जाता. हया नाचाक कसल्याच वाद्यांचो साथ नासता. निखटया गीताच्या बळग्याचेरुच हो नाच वातावरणाक वेगळो रंग हाडटा.

धालो नाचूंक सुरवात करचे पयलीं कांय विधी करपाच्यो आसतात. गांवकान्न

जल्मी-खुंटयेक वात पेटयता आनी विडो ठवून नाल्ल फोडटा. [illegible] 'साद' [illegible] गंद भरोवन सगळया बायलांक 'तिळो' दिला. हें [illegible] आनी खेळाक सुरवात जाता.

कांय वर्सां आदी धालांच्या मांडार 'रंभा' आनी तांचो भाव 'पुंडलीक' [illegible] रंभांचो भार कुमारीका चलयांचेर येतालो. पांच, सात, नव [illegible] रंभांक आनी पुंडलीकाक लोक प्रश्न-मागाणीं विचारताले. [illegible] तांकां आंगवणी करताले.

एके धुंदीत नाचता नाचता मध्यान रात उलगली आनी [illegible] 'रेगो बदलतात' (बांदतात) म्हणजे एके रेगेच्या जाग्यार दुसरी रेग [illegible] म्हण्टकच नाच थांबोवंक जाता. रेगो बदलतना गायतात :

एक रेग बांदीन गे,
(गणेसा) देवा भेटेक धाडीन गे.
दोन रेग बांदीन गे,

पांच रेगो बांदीन गे,
सर्वय देवां भेटे धाडीन गे.

ह्या उपरांत गायतात.

हळडुळी वांटिली,
पोवुल्यो भरिल्यो,
चंग परमळ घेया गे,
नारी खेळाल्यो,
नारी मेळाल्यो.

हें गीत पांच फावट म्हटल्या उपरांत जेन्ना रेगो आप-आपलो जागो सोडून धुंवूंक लागतात तेन्ना म्हण्टात :

वचवचा कनकांनो,
देवाच्या रंभांनो,
हो हरीचा चेंडू तुमी हुपा गे,
हो हरीचा चेंडू तुमी हुपा !

वचवचा कनकांनो,
देवाच्या रंभांनो,
हो हरीचा चेंडू आमी हूपूं गे,
हो हरीचो चेंडू आमी हुपूं !

धालो एकेच पध्दतीन नाचतात. एका पांयार उबें रावन दुसरो पांय तालार मुखार नाचयत हो नाच नाचतात. उजवो–दावो, दावो–उजवो अशें करीत नाचत मुखार वतात. मात आपल्या जाग्यार परत येतना फाटल्या पांयांनी चलत येतात. **''शेवकां बाय शेवकां गे''**, वा **''वाटेवयलो चिड्डो लवलव जाता गे''**, **''अणसां कांय धोणसां''** ह्या सारकीं गीतां गायतनां नाचाची गती एकदम वाडयतात. नाचपाखातीर मुखार करपाचो पांयय बरोच वयर काडटात.

एके रेगेच्या बायलांनी दुसरे रेगेच्या बायलांक आपडूंक जायना. तशेंच पयले दीस जे रेगेक खेळटा ते रेगेक निमाणें मेरेन खेळूंक जाय. पयल्या दिसा मांडार एकाद्रे सवायशिणीन तिळो घेतलो म्हण्टकच तिणें सद्दा मांडार येवपाचें आसता, तिणें एकय रात बारावंक जायना.

रेगो बदलल्या उपरांत जायते नाच नाचतात पूण ह्या नाचांची खरी रंगत आसता 'मांड दवरतात' त्या दिसा. सुरवातेक गांवकान्न 'उपार' रांदून देवाक नेवेद्य दाखयता आनी मागीर जमिल्ल्या बायलांक प्रसाद वांट्टा.उपाराखातीर लागपी गोड, तांदूळ, नाल्ल बी बायलो आप–आपल्या घरच्यान हाडटात.

निमाण्या दिसा मांडार सगळ्या धालोगीतांची याद करून करून उजळणी करतात आनी मागीर नाच थांबयतात. उपरांत फुगड्यो, मोर, घोणचें पील, दातें, कांस(शिकार), बलांव, लग्न, गणसाबैल, कुमाराल्यो मडक्यो, पोरसांतले दुदी अशे तरेकवार खेळ जातात. मांड सोंपोवपाचे सगळे विधी जातकच एकमेकांचो 'खेम–गळो' घेवन बायलो आप–आपल्या घरा वतात.

धालांचो नाच, धालांच्या उत्सवाशिवाय मदीं खयंच नाचूंक जायना.

फुगडी :

फुगडेचो नाच होवूय चोमो नाच. ह्या नाचांत, हात–पांयां वांगडा कमराच्योय लयबध्द हालचाली जातात. ह्या नाचाखातीर कसल्याच वाद्यांचो उपेग जायना तरी पूण हातांच्या ताळयांचें आनी पायांच्या ठेक्यांचें संगीत आसता. ह्या संगीतांत गीतांचो सूर मेळयत बायलो चडटे गतीन नाचतात. केन्ना केन्ना एकाद्रे बायलेचेर नाचपाचो भार येता मागीर तिका 'फुगडी लागली', अशे म्हण्टात.

फुगड्यांचो धूम–धडाको पळोवंक मेळटा तो चवथीच्या उत्सवाक. नागपंचम, गंगळागौरी, श्रावण आयतारांकय फुगड्यो घालतात.

फुगडेचे फुडले प्रकार गांवांत मेळटात :

सादी–फुगडी :

सर्वसादारणपणान फुगडी म्हणटना फुगडेचो दोन प्रकार दोळ्यांमुखार येतात. ह्या नाचाखातीर नाचपी बायलो वांटकुळयोच उब्यो रावतात आनी आपल्या उजव्यान–दाव्यान वाजयत ताळयो मारीत मुखार वतात. तांचे पांगूय तालांन फाटी फुडे पडटात. नाचपी बायलांचो वर्तूळ पुरून रावता.

भोंवरी–फुगडी :

ही फुगडी खेळटना बायलो दोन वळी करून एकामेकांमुखार उब्यो रावतात आनी गितांच्या तालार उजव्यान – दाव्यान ताळयो मारीत आपल्याच भोंवतणी 'भोंवर' घेतात. नाचत नाचत एके वोळींतली बायल दुसरे वळींत आनी दुसरे वळींतली बायल पयले वळींत पावता.

बेबकी–फुगडी :

बायलो वा चलयो सकयल उकणयां बसतात आनी गितांच्या तालार बेबक्यांभशेन पांय फांकारत नाचतात. पांयांवांगडा हातय तायट जातात.

दोट्टी–फुगडी (कचे) :

दोन बायलो एक़मेकांचे हात खुरसान धरतात आनी वांटकुळीच घुंवतात. नाचता नाचता मदींच बसतात, मदींच उठ्ठात.

जोडी–फुगडी :

दोन, चार, स, आठ अशा फाड्यांनी, बायलो वर्तूळाकार उब्यो रावतात, गितांच्या तालार पयलीं आपले हात आपल्या भुजांक तेकयतात मागीर मुखार उडी मारून , आपले जोडयेक मुखार उबी राविल्लेच्या हातांक (तळटांक) हात तेकोवन फाटी येतात. हो नाच चडटे गतीन नाचतात.

गोंयांत कांयकडेन ह्या प्रकाराक 'झिम्मा' अशेंय म्हण्टात.

रगडो–फुगडी :

हो नाच एकट्यान नाचूंक जाता. नाचपी जमनीर फतकल मारून बसता आनी आपल्या पांयांचे आंगठे दोनय हातांत धरून रगडो घुंवडायल्याभाशेन घुंवडायता.

पायाच्या आंगठ्यावांगडा नाचपी आपली मानय वांटकुळी घुंवडायता.

हातफेऱ्याची–फुगडी :

ही फुगडी एकट्यान वा जाय तितल्या जाणांनी नाचूंक जाता. नाचपी आपलो दावो हात जाय

तितको फेरावन, उजवो–दावो अशे फाटीं–फुडें पांय करीत एकाच जाग्यार रावन उब्यांनी नाचता.

दांड्यावयली–फुगडी :

एकटी आपलो हात दांड्यासारको मुखार दिता, बाकीच्यो बायलो त्या दांड्याक आपल्या दाव्या हातान घट धरतात आनी उजव्या हातान त्या दांड्यार 'फार' घालीत उठ–बस करीत नाचतात. मदलो दांडो (बायल) वांटकुळोच घुंवत रावता.

उबी–फुगडी :

उब्यांनी घालपाचे हे फुगडेचो सगळो भार पांयांचेर आसता. नाचपी बायलो जोडयेन उब्यो रावतात. दोन, तीन, चार कितल्योय जोडयो आसूं येतात. नाचपी दावें–उजवें अशें करीत आपलें एक–एक पावल मुखार वडयत, हात फाटी फुडे करीत उब्यानीच नाचतात. नाचतना वर्तूळ घुंवत रावता. ह्या नाचांत ताळयो पेटप जायनात. तशेंच एका एका फेऱ्यासरशीं नाचाची गती वाडटा आनी गीताचे सूरय धावूंक लागतात.

ही फुगडी नाचतना आंगावेलीं कापडां वा न्हेसणां सुटपाचीं आनी आडखळपाची चड शक्यता आशिल्ल्यान तांचो घट कांसाटो मारप सोयिस्कर थारता.

हालींच्या दिसांनी उबे–फुगडेंत दादलेय वांटो घेवंक लागल्यांत.

धालो–फुगडी :

दोन रेगो करून जे तरेन धालो नाचतात तेच तरेन ही फुगडी नाचतात.

बसकी–फुगडी :

फुगडेच्या प्रकारामदलो हो एक आकर्शक प्रकार. हांतूत नाचापरस नाट्य चड आसता. ह्या नाचांत बायलो दोन पंगड करतात. एक पंगड 'व्हंकलकारांचो' तर दुसरो 'न्हवऱ्याकारांचो'. व्हंकल, न्हवरो, यजमान, यजमानीणी, मामा, मामयो, करवल्यो, धेडे, धेडयो, रायबारी, भट अशेतरेचीं संवगां कोणें कोणें करपाचीं तें थारायतात. त्या त्या सवंगाक फावो असो भेसय करतात.

दोनय पंगड जमनीर उकणयां बसतात आनी बेबके–फुगडेंत नाचतात ते तरेन नाचत लग्न सुवाळ्याक (लटको) सुरवात करतात. रायबाऱ्याकडल्यान लग्न जुळोवपा साकून, देणें–घेणें, चाली–रीती, मंगलाष्टकां, होम, कांजीण, पांच परतवण ह्या सारके लग्नांतले सगळे विधी करतात आनी शेवटाक, ''तुजी धूव घरांत सारकी काम करना'' वा ''म्हजे धूवेक चड काम करपाक लायतात'' अश्यो गजाली घेवन वेण–वेणीचीं झगडीं पेट्टात आनी एकमेकांकडलो संबंद तोडून हो नाच सोंपयतात.

हे फुगडेचीं गीतां नासतात, प्रसंगाक धरून जशे सुचतात तशे मेजकेच संवाद उलोवपाचे आसतात. प्रत्येक संवादाची वा उतराची सुरवात ''येणी फू ऽऽऽ '' ह्या उतरान करपाची आसता.

देखीक : कंकलेचो बाणूय न्हयगाच्या बायल म्हयांन धरून म्हणटा, **''येणी फू SSS, येणी फू SSS, म्हगेली धूव, तूं मून करून घे मू SSS !''**

हे फुगडेंतल्या 'येणी फू' ह्या उतरावयल्यान हे फुगडेक 'येणी फू फुगडी' अशें म्हणटात. तशेंच हे फुगडेंत लग्नाचो प्रसंग प्रामुख्यान दाखयतात आशिल्ल्यान तिका 'लग्न–फुगडी' अशें म्हणटात.

कळशी–फुगडी :

तांब्याचो वा पितुळचो कळसो हातांनी नाचयत सांगून 'फू SSS फू SSS' करून फुंकत ही फुगडी नाचतात. ह्या नाचांत बायलो वर्तुळाकार उब्यो रावतात, नाचत नाचत ते वर्तुळ फुडें रावता. कळशांत फुंकील्ल्यान जो 'फू SS फूSS' आवाज जाता त्याच धर्तिच्या तालार हो नाच रंगता.

केन्ना केन्ना एकटीच बायल हातांत कळशी घेवन हो नाच एकोडी नाचतना दिसता.

नागडी–फुगडी :

नागडी–फुगडी घालपाची आंगवण चड करून गणपतीक करतात. आपल्या मनांतली एकादी इत्सा पुराय जाल्यार वा एकाद्रो वायटकार बरो जाल्यार, गणपतीमुखार नागड्यान फुगडी घालपाची आंगवण सांगून घेतात. नाचपी बायल गणपतीक पुजेक लायला ते कुडींचीं दारां बी बंद करून एकटीच गणपतीमुखार नागडी रावन नाचता. ह्या वेळार आंगार एकय वस्त्र दवरचें नासता.

रंभां–फुगडी :

होवूय प्रकार तसो नाचाचो वेगळो प्रकार न्हय, तर सादी–फुगडी जे तरेन नाचतात तेच तरेन हीय फुगडी नाचतात. ही फुगडी नाचतना रंभां चड खुबळटात देखून 'रंभां–फुगडी' अशें म्हणटात. एकदां रंभां–फुगडी नाचली म्हण्टकच मागीर दुसरी कसलीय फुगडी नाचूंक जायना अशें समज आसा.

दादल्यांचे नाच :

दादल्यांनी नाचिल्ले वेवसायीक नाच मेळनात, मात धिंणल्याक आनी शिगम्याक हौसे म्हण नाचिल्ले नाच मेळटात :

धिंणल्याचो नाच :

सजयल्लो 'धिंणलो' दोग राखणे दोन व्हटेन धरतात आनी आंगणांत घाल्ल्या शेणाच्या गोठ्यामुखार फाटीं–फुडें येत नाचतात. नाचतल्यांचे हात धिंणल्याक धरिल्ल्यान हातांच्यो हालचाली जायनात मात पांयांच्या ठेक्यांचेर सगळो नाच आदारिल्लो आसता. ह्या नाचाक हेर राखणे ताळ

आनी ताळयो वाजोवन, गीतां म्हणत साथ दितात.

शिगम्या–मेळाचे नाच :

जिणेंतलें श्लील–अश्लील, नश्ट–भश्ट, नाजूक–रूद्र, पवीत्र–मंगल सगळ्यांचेच दर्शन शिगम्या–मेळाच्या नाचांनी घडटा. हे नाच म्हणजे अस्सल गांवगिऱ्या जिविताचे दृश्टांत. ह्या नाचांचें खास आकर्शण म्हणजे धोल–तासो. हीं वाद्यां नासल्यार नाचप्यांचे पांयूच उखलचे नात.

शिगम्याचो मेळ आंगणात पावलो तशे सुरवातेक खेळे धोल – ताशांच्या रूद्र सुरात तुळशी भोवतणी वा आंगणात वाटकुळेच नाचत 'शबै' घालतात. शबै नाचतना पांय कमरामेरेन वयर उखलून उडकी मारतात. ह्या नाचाक धोल – तासो जितको जोरान वाजता तितकें नाचपाक स्फुरण येता. **''शबै ! शबै ! भले भले शबै !''** म्हणत नाचपी एक एक 'दुलपद' म्हुणूंक सुरवात करतात.

चानयेच्या पिला तुका
तीन गो पाट
रावणान शिते व्हेल्या
दाखय वाट.
शबै ! शबै !''

अशेतरेचीं दुलपदां गायतात.

हो नाच चड करून भुरगे आनी तरणाटे नाचतात. केन्ना केन्ना एकाद्रया म्हाताऱ्याकय स्फुरण येता. काळोख दाटूंक लागलो म्हण्टकच हीच शबै नाचतना हातांत पेट्टे 'काकाडे' घेवन रूद्र वाजपाच्या तालार नाचतात. पुनवेच्या चान्यांत तांबशा उज्यान भगभगतल्या ह्या 'काकाड्यांचो नाच' पळोवप्याक ताचे आदिम अवस्थेची याद जाता.

तोणयां–नाच, गोफ, उबो नाच, घोडो अशे शिगम्याच्या नाचाचे जायते प्रकार जातात.

तोणयां–नाच :

नाचपी खेळे आपल्या दोनय हातांत लाकडाची एक एक तोणी घेतात आनी एकमेकांच्या तोणयांचेर त्यो तालार मारत एके आकर्शक पध्दतीन नाचतात. हातांच्या हालचालीबरोबर पायांचे ठेके घेवप तितलेंच म्हत्वाचें आसता. हो नाच नाचपी पुराय शिटूक आंसूक जाय. ताच्या पुराय आंगाची हालचाल वेगान जावंक जाय. नाचपी केन्ना दोन पावलां मुखार घालता, केन्ना आपलेच भोंवतणी घुंवता तर केन्ना आपलो जोडिदार सोडून दुसरो जोडिदार धरता. नाचता नाचता तो केन्ना जमनीर बसता तर केन्ना न्हिदून खेळटा.

गोफ :

गोफ नाचपाखातीर (विणपाखातीर) [illegible] बारा, सोळा अशो फाडयो नंबरांनी [illegible] तोणयांच्या आदारार नाचत नाचत ह्या दोऱ्यांचो सुंदर गोफ विणतात. [illegible] सोडटात. ह्या वीस वर्सांत गोफ विणपाचो प्रकार [illegible].

उबो नाच :

शिगम्याच्या नाचांमदलो आज मुखेलपणान [illegible] नाचतना धोल ताशाचें वाजप बंद करतात आनी [illegible] खेळे वांटकुळेच रावन नाचतात.

घोडो घालप (नाचप) :

दर घराकडेन शिगम्याच्या मेळांत आरत नाचयतात. [illegible] नाचोवपाची आसता. आपल्या दोनय हातांत आरत धरून [illegible] दोडून नाचपी केंरवो नाच नाचता. ह्या नाचाक [illegible].

ह्या वेळार आरत नाचयतल्याच्या भोंवतणी रावन [illegible]

चंद्रेश्वरदेवाच्यो आरती करतनाय, एका तेंपार [illegible] दाखयतल्याचें सांगतात.

किरिस्तांव समाजाचे नाच

किरिस्तांव समाजांतल्या दादल्यांनी नाचिल्ले जे नाच मेळटात [illegible] आसात. वेवसायीक कलाकारांनी नाचिल्लो एकय नाच मेळना. [illegible]

किरिस्तांव समाजांतल्यो बायलो तर आज एकय लोकनाच [illegible] तेंपार त्यो 'धालो खेळटल्याची' माहिती मेळटा. आज गांवांत उपलब्ध [illegible] माहितीवयल्यान हिंदूंच्या धालांमदीं आनी तांच्या धालांमदीं बरेंच [illegible] येता. हिंदूंच्या धालांसारक्योच तांच्यो धालोय गडयां [illegible]. गांवकार–गांवकान्नीच्या हातांनी मांडावयलें देवस्पण सुरू [illegible]. [illegible] साग्य आशिल्लें. गांवच्या जल्मी–खुंटयेक होरावनच तांच्याय [illegible]

दादल्यांचे नाच :

इंत्रूजाचो नाच :

धोल, तासो, कांसाळीं आनी घुमटां ह्या वाद्यांच्या तालाचेर इंत्रूजाचो [illegible]

...ून नाचता. धड देशी न्हय, धड पश्चिमी न्हय, अशे मदले अवस्थेंत उबो आशिल्लो नाच आज इंत्रूजाच्या मेळाक पळोवंक मेळटा. एका तेंपार ह्या मेळाक हिंदूंच्या शिगम्याच्या मेळासारक्यो चौरंगी गायताले. आठ दीस आदी गडे मांडार खेळाची तालीम करताले, मागीर नमन घालून शेजारच्या गांवांनी खेळूंक भायर सरताले. आज ही चाल बंद पडल्या, पूण आज शेळडें– असोळडें सारकिल्ल्या आमोणेच्या शेजारच्या गांवांनी इंत्रूजाच्या मेळाक मुजरत 'तालगडी' नाचिल्ली पळोवंक मेळटा. हे तालगडीचीं गीतां वा मेळांत गायिल्ल्यो चौरंगी त्या गांवच्या हिंदूंच्या शिगम्या मेळाचें जितें जिवें पडबींब कशें भासता.

सोज्यांवाचो नाच :

सोज्यांव फेस्ता दिसा हो नाच नाचतात. हातांतले पिडे (पिराडे) एका तालार जमनीर आपटून नाचपी हो नाच नाचतात. पावसाच्या 'रोवरोवपी' आवाजाचें संगीत आनी उदकांत – रेब्यांत पिडे आपटिल्ल्यान जावपी 'फट ! फट' आवाज, हाचो ह्या नाचाक सांगात आसता.

वयर वयर पळोवपी ह्या नाचाक नाच अशें मानूंक तयार जावंचोना, पूण नाचाक लागपी लयबध्द हालचाली पिडें आपटुवपाचे क्रियेंत जाता आशिल्ल्यान ते क्रियेक 'नाच' अशें म्हण मानचें पडटा.

आ. लोकनाटक

लोकनाटकाचे फुडले तीन प्रकार गांवांत मेळटात :

१) कालो २) जागर ३) खेळ

१. कालो

चंद्रवाडींतल्या हेर गांवांनी 'कालो' जातालो पूण आमोणें गांवांत जायनाशिल्लो. आमोणें गांव हो चंद्रवाडीचो म्हालगांव आशिल्ल्यान चंद्रनाथ पर्वतार जो कालो जातालो तोच आमोणें गांवचो कालो अशें मानताले.

काल्याचे दोन प्रकार गांवांत मेळटात, 'दशावतारी कालो' आनी 'धंय कालो'.

दशावतारी कालो :

चंद्रनाथ पर्वतार रावपी कलवतजातीचें पेडणेंकार घराणें, हो दशावतारी कालो, चंद्रनाथ पर्वतार आनी चंद्रवाडींतल्या हेर गांवांनीय सादर करताले आमोणें गांवांत रावपी 'हरदास' ह्या काल्याचें सुत्रधारपण करतालो.

चंद्रवाडींतल्या काल्याची सुरवात 'कार्तिक पुनवेन ' जाता. त्या दिसा चंद्रनाथ पर्वतार काले केल्या उपरांत हेर गांवांनी कालो करपाखातीर काल्याचो पंगड भायर सरता.

पर्वतावयल्यान काल्याचो पेटारो सकयल [illegible] गांवगांत पयलीं [illegible] येवन येतात. थंय हरदासाच्या घराकडेन ब्रह्म्याच्या आंगार पेटाऱ्याची पुजा करून [illegible] करतात आनी नाल्ल फोडटात. मागीर 'कालेकार' [illegible] त्या त्या गांवांनी कालो सादर करून [illegible]. अशें सांगतात, ह्या ब्रह्म्यान चंद्रवाडींतलो पयलो कालो बसयिल्लो (निर्देशित केल्लो). काल्याचो पयलो हरदासय (सुत्रधार) तोच आशिल्लो. देखून ताका मान दिवपाच्या उद्देशान दर वर्सा ताची स्थापना केल्ल्या जाग्यार पेटारो उगडून दवरून ताका नमन करतात आनी मुखार वतात. आज आमोणें गांवांत काल्याचो पेटारो येना. काल्याचो पयलींचो पंगड आज [illegible]. आज चंद्रनाथ पर्वतार म्हाजन आनी हेर हौशी तरणाटे मेळून काल्याची एक भोगावळ कशी सादर करतात. हेर गांवांनीय हीच गत आसा. मात पूर्विल्लो काल्याचो पेटारो आतय [illegible] घराण्याकडेन आसा.

काल्याक लागपी भेस, अळंकार वा रंग पयलीं कलाकार आपले आपूणच तयार करताले. काल्यांत बायलेचें सवंग दादलोच करतालो. एका काळार काल्याक आयचे भाशेन स्टेज वा पडदे नासताले. जमनीरच कालो जातालो. एक कपडो दोनय वांटांनी धरून ताचो पडद्या भशेन वापर करताले.

ह्या काल्यांत विष्णुच्या धा अवतारांपैकी खंयच्याय एका अवताराचें आख्यान घेताले आनी तें नाट्य रूपांत सादर करताले देखून 'दशावतारी कालो' अशें नांव पडलें. आज फकत 'शंकासुराचें' एक आख्यान घेतात आनी तेंवूय एक भोगावळ कशी करून सोंपयतात. सुरवातेक गणपतीची पुजा करून सामाजिक वा ऐतिहासीक विशयावयलें एकादें नाटक सादर करतात आनी त्या उपरांत निमाणें सोंपोवपाच्या वेळार शंकासुराचें आख्यान लायतात. विष्णुन केल्ल्या शंकासुर वधान कालो सोंपता.

दशावतारी काल्यांत सुरवातेक स्टेजीर येता 'हरदास'. हो काल्याचो सुत्रधार. आंगांत लांब झगो, देगेचें पुडवें, माथ्याक पगडी, खांदार उपरणें, कपलाक गंद, गळ्यांत फुलांची माळ, अशा भेसांत ताळ वाजयत हरदास प्रवेश करता. 'मगलाचरणां' गावन तो खूब वेळ देवाची स्तुती करता. उपरांत येता 'फकाणेर'. ह्या फकाणेरा आनी हरदासामदीं जायती बाचाबाची जाता. हरदासान विचारिल्ल्या प्रश्नांक तो फकाणेर वेगळ्योच जापो दिता. ताच्या उलवण्यांत खूब अश्लील उतरां येतात,ताच्या उतरां कणकणी विनोद भरिल्लो आसता. चालू घडामोडी, राजकारण, कोणाले लग्न, प्रेमप्रकरण हे ताच्या उलोवपाचे विशय आसतात. उपरांत येता 'भट'. ह्या भटा आनी हरदासामदीं जायतीं उलोवणीं जातात. हरदास भटाक बाबा–पुता करून गणपतीचे पुजेखातीर तयार करता. मागीर ऋध्दि–सिध्दि वांगडा गणपती माचयेर प्रवेश करता.

भट गणपतीची पुजा करता, ही पुजाय विनोदी पध्दतीन जाता. हरदासाक पखवाजाची साथ दिवंक आशिल्ले दोग हस्तकय हे पुजेंत लुडबुड करतात. गणपती आर्शीवाद दिवन गेल्या उपरांत काल्याच्या मुखेल भागाक सुरवात जाता. जायत्या फावट गणपती येवन गेल्या उपरांत सरस्वती, शिव–पार्वती बी आशिर्वाद दिवपाखातीर माचयेर येतात.

गणपीचे पुजेउपरांत आपल्याक जाय तें आख्यान घेवन काल्याक सुरवात करतात.

दशावतारी कालो सोंपयताना हरदास निमाणें एक होंवी म्हण्टा ती अशी :

येवम शंकासूरा कारणे
मत्सरूप धरिले नारायणे
कुर्म होवुनिया तेणे
ब्रह्मांड पृथ्वी सावरी.
पृथ्वी नेता हिरण्याक्ष
त्यावेळी झाला वराहवेष
रक्षावयास प्रल्हादास
नरसिंह वेष धरिला.
मत्सापासून चार ते नरहरी
पर्यंत झाले किती.
त्रेती वामन, परशुराम
तिसरा रामसिताराम.
ऐसे अवतार सात बनविले
व्दापारी तो आठवा,
श्रीकृष्ण बौध्द माजी
प्रकटे कल्की पुढे दहावा.

काल्याची सुरवात रातच्या सादारण धा वरांचेर जाता आनी फांतोडेर झिळमिट्यार कालो सोंपता.

कार्तिक पुनवेन सुरू जाल्ले काले, फाल्गून उमासमेरेन सोंपोवपाचे आसतात.

धंय–कालो :

दशावतारी कालो सोंपलो तसो ताच्या फाटोफाट (पर्वतार) 'धंय कालो' करतात.

हरदास गीतां गावन एकेक कृष्णलीला वर्णन करता आनी नाटकाचें सुत्रधारपण करता. कृष्ण आनी ताच्या संवगड्याचे वा हेर पात्रांचे भेस घेतिल्ले कलाकारय प्रसंगानुरूप अशे हावभाव आनी संवाद उलयतात.

ह्या काल्यांतली निमाणी पूण म्हत्वाची कार्यावळ म्हणजे धंयाचो गाडगो फोडपाची. एका मातयेच्या गाडग्यांत धंय–दूद–फोव–चिरमुल्यो घालून तो वयर हुमकळायिल्लो आसता. बाळकृष्णाची मूर्त घेवन हरदास त्या गाडग्या म्हऱ्यांत वता आनी कावळयाच्या मुख्यान चोंच मारून त्या गाडग्याक बुराक करता. त्या बुराकांतल्यान गळपी धंय–फोव, तीर्थ–प्रसाद म्हण घेवपाखातीर

लोक मागीर गर्दी करतात.

थंय काल्याक 'गोपाळ - काला' अशेंय म्हणटात.

२. जागर

'गावडी-जागर' आनी 'पेरणी-जागर' अशे जागराचे दोन प्रकार एकाकाळार [illegible] आशिल्ल्याची माहिती मेळटा. आज गांवांत हे दोनय प्रकार गांवांतल्यान पुराय [illegible].

गावडी-जागर :

फाटल्या सुमार साठ वर्सां सावन हो जागर गांवांतल्यान पुराय नपंयत जाला. [illegible] मेळपी माहितीवयल्यान हो जागर एकाकाळार मुखेलपणान गावडी समाजांतले लोक सादर करतल्याचें कळटा. म्हार, म्हारीण, खाप्री, खापुल्ले, नाचरे, सवायशीण, आंकवार, [illegible], [illegible], निखणदार, गांय, सून, सवत अशेतरेचीं सवंगां ह्या जागरांत नाचतल्याचें कळटा.

खुद्द आगोण्यांत, कपेलाकडेन ह्या जागराचो मांड आशिल्ल्याचें सांगतात.

पेरणी-जागर :

चंद्रवाडींतल्या गळकर्णें गांवांत रावपी पेरणी जातीचे घराणें हो जागर सादर करतालें. ह्या कामाखातीर तांकां थोडी शेत-जमीन सुटिल्ली आशिल्ली. दादल्यांबगेवर बायल्यो जागरांत वांटो घेताल्यो (ह्या घराण्यांत बायलांक शेंस घालपाची चाल आशिल्ली).

चंद्रनाथ पर्वतार, चैत्रपुनवेच्या उत्सवाच्या निमाणे रातीं हो 'पेरणी - जागर' जातालो. हेर गांवांनी थंयच्या थंयच्या जात्रेच्या उत्सवाकडेन जागर सादर करताले.

पेरणी जागरांत सुरवातेक दिवली पेटोवन देवाची होरावणी केल्या उपरांत गणपती नाचून जाता. उपरांत येता 'पावणो'. त्या नंतर घाडी, भट, मुंजो, खोजो अशेतरेचीं सवंगां येवन वतात. उपरांत मुखेल आख्यानाक सुरवात जाता. ह्या आख्यानाचो सार असो: 'मधूभाऊ' आनी 'किटुभाऊ' (पुराणांतलो मधुकैटभ राकेस, तो हांगा दोन भावांच्या रूपांत दाखयतात. ह्या [illegible] राकेसाचो 'आदिमायेन' म्हणजे शक्तीदेवतेन वध केल्लो खंय) हे दोग राकेस भाव भंयकर हावभाव करीत माचयेर प्रवेश करतात. मागीर ह्या राकेसांक मारपाखातीर 'म्हातारी' (दादल्योच बायलेचें सवंग करता) येवन त्या दोनय राकेसांकडेन झूंज करता आनी तांकां मारून वडयता मागीर जागर सोंपता.

आज हो पेरणी जागर करपाचें बंद जालां. त्या घराण्याकडेन तांचो जागराचो पेटारो आज बंदिस्त अवस्थेंत पडून आशिल्ल्याचें कळटा.

३. खेळ

किरिस्तांव समाजामदल्या हौशी कलाकारांनी सादर केल्लो लोकनाटकाचो एक प्रकार म्हणजे

'खेळ'. हो खेळ पयलीं जमनीर जातालोदेखून ताका 'जमनीवयलो खेळ' अशेंय म्हण्टात.

हो खेळ पयलीं किरिस्तांवांच्या मांडार जातालो. धोल, तासो आनी घुमटांचें ताका संगीत आसतालें. दिसपट्टे जिणेंतल्या घरगुती प्रश्नांचेर ह्या खेळाचें कथानक आदारिल्लें आसतालें. पूण हें कथानक बरयल्लें नासतालें, कथाबीजाक धरून पात्रां वेळार संवांद घडोवन खेळाक रंगत हाडटालीं. खेळांत कवनां– कांतारां भरपूर आसतालीं . ऐनवेळार कितक्यातरी फालांचो जल्म जातालो. ह्या खेळांत बायलेचें सवंग दादलोच करतालो.

इत्रूंज– पास्कां सारक्या परबांक ह्या खेळांचें प्रयोजन जातालें.

इ. लोकसंगीत

लोकसंगीत हो लोककलांचो प्राण. लोककलांतसून लोकसंगीत कुशीक काडपाचो यत्न केल्यार, त्यो चैतन्यहीन जातल्यो.

लोकसंगीताचीं तरेकवार वाद्यां आमोणें गांवांत मेळटात. तांतलीं कांय भौशीक मालकेचीं जाल्यार कांय खाजगी मालकेचीं. त्या वाद्यांचें फुडलेतरेन वर्गीकरण करूंक मेळटा:

धोडावपाचीं वाद्यां :

हांतूत धोल, तासो, घुमट, नगारो, धोलकें, शामेळ, जगांट अशेतरेच्या वाद्यांचो आस्पाव जाता. तबलें आनी पखवाजय हांतूत आस्पावता.

फुंकपाचीं वाद्यां :

शींग, कोरनो, सुर्त, बांको, शेनाय, हीं फुंकपाचीं वाद्यां.

बोटान वाजोवपाचीं वाद्यां :

तंबारो आनी एकतारी हीं बोटान वाजोवपाचीं दोन वाद्यां गांवांत आशिल्लीं.

घस्टुवपाचीं वाद्यां :

एकमेकांचेर घस्टिल्या उपरांत जांतुतल्यान सुंदर स्वर भायर सरतात अशीं वाद्यां म्हळ्यार ताळ , झांज, कांसाळें बी. तिपऱ्यांचोय ह्याच प्रकारांत आस्पाव जाता.

वयर वर्णन केल्यांत त्या वाद्यांमदलो धोल आनी तासो आज गांवांत [illegible] आसा.

फुंकपाचीं सगळीं वाद्यां पर्वतावयल्या 'वाजंत्र्यांचीं', [illegible] गांवांत कसल्याय उत्सवांवेळार वा लग्न-मुंजी सारकिल्या कार्यांवेळार [illegible] आपोवणें धाडटाले. (हेरतरेचीं य वाद्यां तांचेकडेन आसतालीं)

धोल, तासो, घुमट आनी कांसाळें हीं लोकवाद्यां किरिस्तांव समाजांत [illegible] दिसतात.

ई. लोकखेळ

लोकखेळ दोन भागांनी विभागू येतात : वेवसायीक खेळ आनी हौशी खेळ. [illegible] ह्या खेळांची माहिती दिवंचे पयलीं थोडें प्रास्तावीक गरजेचें.

पूर्विल्ल्या काळार प्रत्येक जातीच्या लोकांचे वेवसाय थारिल्ले आसताले. दर एकट्याक आप-आपल्या पूर्वजांच्या वेवसायाकच चिकटून रावचें पडटालें. ग्रामवेवस्थेंतल्या प्रत्येक वेवसायाच्या लोकांक लागपी धान्य पिकोवपाची जबाबदारी शेतकामत्याची आसताली. गांवचे गावडे, कुणबी लोक प्रामुख्यान हो वेवसाय करताले. ह्या धान्यांबदला हेर वेवसायांतले लोक आप-आपल्या कुवतीप्रमाण ताच्यो गरजो भागयताले. मळणे वेळार आपआपले सेवेचें भात तांणीं शेतकामत्याच्या खळार वचून घेवपाचें आसतालें. म्हालो, चामार, मेस्त, कुमार, म्हार, मडवळ, तारी, शेट, गुरव, वाणी हे पूर्विल्ल्या ग्रामवेवस्थेंतले 'खळकुडवी'. तांकां दर खळार 'कुडोवभर' भात दिताले. सिवाय दर परबेक तांकां 'परब' (परबेचें खाण, नाल्ल, भात बी) मेळटाली.

शेतकामत्याच्या संवसाराक ह्या खळकुडव्यांचे सेवेची जशी गरज लागताली, तशेच दिसभर शेतां-भातांत कश्टून त्राशिल्ल्या ताच्या मनाक मनरंजनाचीय गरज आसताली. तांका आत्मीक समाधान मेळपाखातीर देव-देवस्पणाचीय गरज भासताली. पूर्विल्ले ग्रामवेवस्थेंत हिंदू [illegible] आशिल्ल्याचें दिसून येता.

अशेतरेच्या मनरंजन साधनांची वा त्या कलाकारांची माहिती दिवंचे पयलीं देव-देवस्पण घेवन त्या त्या देवाचे प्रतिनिधी म्हण गांवांत भोंवप्यांची माहिती दिवप चड समा जातले.

देवांचे प्रतिनिधी :

आमोणें गांवांत गांवचे अशे खाशेले, कांय देवांचे प्रतिनिधी भोंवतात, त्याच बरोबर भायल्या राज्यांतल्यानय येतात. गोंयच्या दुसऱ्या वाठारांतल्यानय दर वर्सा येवन कांय जाण आपली वर्सावळीची भोंवडी करतात. ह्या सगळयांची थोडे भितर माहिती अशी :

भवानीच्यो सेवेकरी बायलो :

आमोणेच्या कटोवाड्यार रावपी, नार्वें गांवच्यान आयिल्ल्या 'नायक' जातीच्या घराण्यांत (आडनांवय नायकच लायतात) बायलांनी 'भवानीचो कुचो' (मोरपाखांचो झाडो) घेवन दर मंगळारा गांवांत भोंवपाची चाल आसा.

कुच्याक पांचवीं कांकणां घाल्ली आसतात आनी तो एके वल्लेंत घेवन भोंवतात.

दर घरांत वतकच ती बायलमनीस भवानीचें नांव घेवन घरच्या घरकाराक, घरकान्नीक, भुरग्यां–बाळांक बरी भलायकी आनी सुशेग मागता. 'फूल–कुकमाचो' प्रसाद दिता. घरांतले सवायशिणीन फूल–कुकूम घालून कुच्याची पुजा करपाची आसता. ल्हान भुरग्याक आनी दुयेंतीक तिचेकडल्यान 'झाडो' (कुच्यान आंग झाडप) घालून घेवपाची चाल आसा.

कुचो घेवन येवपी बायलेक 'भात' दितात. झाडो घालून घेतल्यार सुबेज भात दिवंचे लागता.

आमोणें गांवाशिवाय चंद्रवाडींतल्या हेर गांवांनीय भोंवपाची तिका मेकळीक आसा.

आज अशेतरेन कुचो घेवन गांवांत भोंवपाची चाल बंद पडल्या पूण तो कुचो आजय तांचे देवाकुडींत पुजेक लायिल्लो आसा.

गोंसाय :

सांग्यावयल्या कुर्पें गांवांत रावपी गोंसाय वर्साक दोनदां आमोणें गांवांत भोंवडेक येता. सिध्दनाथाचो वा भूतनाथाचो हो प्रतिनिधी येतना आपल्या बरोबर एक 'त्रिशूळ' घेवन येता. गांवच्या मांडार येवन तो तें 'त्रिशूळ' पुरता आनी 'शंख' फुंकता. शंखाचो आवाज कानार पडलो तशे गांवचे लोक 'नाल्ल–पड' वा 'भात' घेवन ताचे भेटेक वतात. भेटेक गेल्ल्यांक तो बिबूत लायता.

ह्या शिवाय 'शिरोडें' आनी 'बाळ्ळी' गांवचो गोंसाय गांवांत भोंवडेक येता. पूण तांची आमोणें गांवांक चड लागणूक ना.

शिरगांवकान्नीच्यो सेवेकरी बायलो :

दिवचल तालुक्यांतल्या शिरगांवकान्नीच्यो प्रतिनिधी म्हण कांय बायलो 'कुचो' घेवन दर वर्सा गांवांत येतात. सादारणपणान शिरगांवकान्नीच्या म्हणजे लईराईच्या जात्रेच्या उत्सवाक म्हयनो–देड म्हयनो आसा म्हळ्यार त्यो गांव भोवूंक भायर सरतात.

देवते शिरगांवकान्नी,
घरांतली इडा–पिडा पयस कर !
भुरग्या–बाळांक औक्षिवंत कर !

म्हण आशिर्वाद दित त्यो घरांतल्या लोकांक काजळ–कुंकुम लायतात.

दर घराकाडेन सवायशिणी कुच्याची पुजा करून तिका भात दितात. [illegible] 'झाडी' घालून घेवपाचीय चाल आसा.

गोंयाभायल्यान, देवाचे कांय प्रतिनिधी गांवांत येताले. तांतले आज मेरेन दिसपी कांय अशे :

अंबाबाईचे गोंधळी:

कोल्हापुरच्यान अंबाबाईचो पेटारो घेवन सादारणपणान पिकेच्या दिसांनी एक दादलोमनीस गांवांत येता. ताका 'गोंधळी' अशें म्हण्टात. आंगाक लांब झगो, कमराक धोतर, माथ्याक शिंपयो लायिल्ली तोंपी असो ताचो भेस आसता. ताच्या आंगावयले कपडे सदांच नेटकट जाल्ले आसतात. एका खांदाक पेटारो आशिल्लो बोटवो जाल्यार दुसऱ्या खांदाक भात–तांदूळ घालपाखातीर झोळी हुमकळायिल्ले अवस्थेंत तो गांवांत येता.

दर घराकडेन वतकच तो आपलो पेटारो उगडटा आनी तिपऱ्यो वाजोवन, अंबाबाईची स्तुती गीतां गावन नाचता. घरांतल्यो सवायशीणी मागीर अंबाबाईची 'फूल–कूकूम' घालून पुजा करतात, तिची व्होट भरतात, गोंधळ्याक भात दितात.

घारांतलें वायट पयस करपाखातीर 'गोंधळ' घालून घेवपाची चाल आसा. गोंधळ घालपाखातीर दिवटेक तेल दिवंचें लागता. तशेंच गोंधळ्याक वेगळो 'विडो' दिवंचो लागता. गोंधळ घालपाखातीर कमीत ते चार जाणांची गरज आसता. हातांत पेट्टी दिवटी घेवन गोंधळी गोंधळ घालतना एके खाशेले पध्दतीन नाचता. नाचता–नाचता हांतांतली पेट्टी दिवटी ते आंगाक तेंकयतात तोंडान, ''**अंबाबाई, उदे ! उदे !**'' म्हणत कांय गीतांय गायतात.

खुद्द आमोण्यांत एका काळार रावपी वाणी जातीच्या 'शेटकार' घराण्यांत तशेंच कटोवाड्यार भवानीचें देवस्पण आशिल्ल्या नायक जातीच्या घराण्यांत, दर वर्सा गोंधळ्यांक आपोवन 'सात राती' गोंधळ घालपाची चाल आशिल्ली.

वारकरी :

आषाढी तशेंच कार्तिकी एकादशीक थोडे दीस आसा म्हळ्यार विठोबाचे कांय भक्त गांवांत भोंवतना दिसतात. तांकां 'वारकरी' म्हणटात. आंगार संन्याशाचे भगवे कपडे, हातांत भगवी धुडी

असो ताचो भेस आसता. हातांतली तिपरी वा ताळ वाजयत दर घराकडेन वचून ते विठोबाचीं स्तुतीगीतां गायतात. जें कितें तांदूळ–पयशे लोक तांकां दितात तें एकठांय करून ते पंढरपुराक एकादशीक वतात.

मरीअम्मेचो प्रतिनिधी :

मरीअम्मेक रोग पिडा ना करपी देवता म्हण मानतात. महाराष्ट्र कर्नाटक, ओरीसा, तामीळनाडु ह्या राज्यांत मरीअम्मेचें प्रस्थ चड. आमोणें गांवांत दर वर्सा कर्नाटक राज्यांतल्यान एक दादलो मरीअम्मेचो पेटारो घेवन येता. सादारणपणान ऑक्टोबर–नोव्हेंबर म्हयन्यांत गांवांत ताची भोंवडी आसता.

कमराक तरेकवार रंगांच्या पट्यांचो घागरो, कमरावयलो भाग उगडो, पायांक मोठ्यो घागऱ्यो, तोंडाक, कपलाक, हड्ड्याक, भूजांक, हळदी–कुकमाचे पाट, वाडिल्ल्या केंसांचो माथ्यार बुचडो असो ताचो भेस आसता.

आमोणें गांवांत तो पिंपळापेडाकडेन येवन बसता आनी आपलो पेटारो उगडटा. ताचेबरोबर एक बायलमनीस आसता. ती धोलकें वाजयता आनी तो जें जें म्हण्टा ताका साथ दिता.

पेटारो उगडून तो देवतेची पुजा करता आनी मागीर आपल्या तोंडार एक रूपडें चडयता, हातांत मोठी घांट घेता आनी ती वाजयत **''ये ताई मरी अम्माऽऽऽऽऽ !''** म्हणत कांय गीतां गायता आनी रूद्र असो नाच करता. उपरांत विणयेसारकें दिसपी एक व्हडलें चाबूक घेवन तें आपल्या आंगार मारीत नाचता.

ताच्या त्या रूपड्याक आनी चाबकाक भुरग्यां भिवन किंळच्यो मारतात.

मरीअम्मा गांवची रोग–पिडा घेवन वता अशें मानतात. मरीअम्मेक 'सूप' दिवपाची चाल आसा. एका सुपांत सवंसाराक लागपी जिनस, म्हळयार मीठ–मिरसांग, तांदूळ–सोलां, नाल्ल–हळद बी घालतात. शिवाय काजळ–कुकूम, तीन रंगाचीं फुलां, तीन कोनशांचो कोयर, केंस ह्या सुपांत घालतात. केन्ना केन्ना भुरग्या भोंवतणी वा दुयेंती भोंवतणी एकाद्रें 'तांती' उंवाळून त्या सुपांत दवरतात.

घराक एक ह्या प्रमाण मरीअम्मेक सूप दिवंक जाय नाजाल्यार ती गांवार रोग–पिडा येवूं म्हण शिराप दिता असो समज आसा.

गांवचे लोक मरीअम्मेक आंगवणी सांगून घेतात आनी जेन्ना तिची भोंवडी गांवांत आसता तेन्ना त्यो पावयतात. मरीअम्मेचो 'झाडो' घालून घेवपाचीय चाल आसा. दिल्ल्या सुपांतलो 'शिदो' काडून दवरून ती सूप परतें करता मात तांतलो कोयर–कचरो गांवचे शिमेभायर व्हरून वडयता.

मरीअम्मेचो हो प्रतिनिधी आपल्या बरोबर आपल्या कुंटूबाकय घेवन भोंवता. तांची जमात ही एक हेडगी जमात. प्रत्येक गांवांत पावतकच तो एका जाग्यार आपलो पडाव घालता आनी मागीर त्या वाठारांतल्या थारावीक जाग्यांनी भेट दिता.

गरीअम्मेच्या प्रतिनिधीच्या भेसा करपाक [illegible] भुरग्यां शिना [illegible] पळोवपाक उमळशिकेन धांवतात.



कांय 'लोकगायक'य दर वर्सा गांवांत येताले. हे गायक वड करून [illegible] देवांक-देवस्थानांक बांदिल्ले आशिल्ल्यान ते धार्मीक देवांचीय [illegible] पारायिल्लें आसताले.

एकतारी, तंबारो, किन्नरी अशेतरेचीं वाद्यां घेवन आमगेर तांतले कांय लोकगायक [illegible] भोंविल्ले दिसतात.



१. वेवसायीक खेळ

तरेकवार खेळ करून लोकांचें मनरंजन करप आनी त्या मार्गान मेळपी येणावळीचेर आपलें आनी आपल्या कुटुंबाचें पोट भरप हो कांय लोकांचो पारंपारीक वेवसाय जावन आसा. खंयच्या घराण्यान खंयचो खेळ करप हेंवूय पूर्विल्ले ग्रामवेवस्थेत थारिल्ले आसताले. आपल्या घराण्याचो खेळ सोडून दुसरो खेळ त्या घराण्याक करूंक मेळनाशिल्लो.

गणसाबैलाचो खेळ, गारूड्याचो खेळ, वास्वेलाचो खेळ, डोंबाऱ्याचो खेळ, जादुचो खेळ, भोवरूप्याचो खेळ, बावल्यांचो खेळ, अशेतरेचे जायते खेळ वेवसाय म्हण केल्ले दिसतात.

गोंयांत मात फकत 'गणसाबैलाचो खेळ' करपी कलाकार आशिल्ले अशे दिसना. हेंवूय कलाकार मूळ गोंयचे न्हय अशें अभ्यासाअंती दिसून येता.

चंद्रवाडीकडेन संबंदीत गणसाबैलाचो हो एकूच वेवसायीक खेळ मेळटा. वयर उल्लेखिल्ले हेर खेळ गोंयभायले कलाकार गांवांत येवन अदीं– मदीं सादर करताले.

गणसाबैलाचो खेळ :

गणसाबैलाक महादेवाच्या नंदीचें प्रतीक मानतात. देखून ताका 'नंदीबैल' अशेंय म्हण्टात. महाराष्ट्रांत 'नंदीबैल' हेंच उतर चालंत आसा.

आमोणें गांवांत दरवर्सा गणसाबैल घेवन येवपी मनशाक चंद्रवाडीच्या बावीस गांवची लागणूक आसा. चंद्रवाडी भायरय कांय गांवांनी तो खेळ करूंक वता, पूण चंद्रवाडीच्या बावीस गांवांनी ताणें वर्सावळीचो खेळ केलो नाजाल्यार ताचेर देवाचो कोप जातलो असो समज आसा.

खेळूंक भायर सल्लो म्हण्टकच तो सगळ्यांत पयलीं आमोणें गांवांत खेळ करता. पीक जाली आनी लोकांक आपल्या शेतां–भातांतल्यान उसरपत मेळ्ळी म्हण्टकच तो खेळ करूंक भायर सरता.

आमोणें गांवाकडेन संबंदीत गणसाबैलकार शिरवय गांवच्या 'बोमडामळ' वाड्यार रावता. तो 'ठाकर' जमातीचो. ताचें घराणें खूब पूर्विल्ल्या काळार सावंतवाडी – बांदेच्यान चंद्रवाडीत येवन स्थायीक जाल्लें. ताचो कूळदेव 'बांदेश्वर'. बांदेश्वराचें लिंग आजय ताच्या घरांत पुजेक लायिल्लें आसा. बांदेच्यान येतना ताचो पूर्वज तें घेवन आयिल्ल्याचें सांगतात.

एका धश्ट–पुश्ट बैलाक गणसाबैल करतात. तरेकवार रंगीत खण, कपडे आनी कपयाळीं मांडून ताची फाट सजयतात. ताच्या चारूय पायांक घागऱ्यो बांदतात. गळ्यांत घांटी आनी रंगीत मणयांच्यो माळी. शिंगांक तांब्याचीं तोंपरी आनी गोंडे. कुमास्तरार अळंकार. कपलार गणेसाची मूर्त आशिल्लो पितुळचो टांक. शिवाय तरेकवार फुलां लावन त्या बैलाक सजयतात.

गणसाबैलकार स्वता धोतर, खोमीस आनी मुंडासो असो भेस करता. तो गळ्यांत एक 'धोलकें' घालून येता. केन्ना केन्ना ताच्या बरोबर ताचो ल्हान पुतय आसता. ताचोय भेस बापायसारको आसता. तो शेनाय वाजोवन बापायक खेळ करपाखातीर मदत करता. गणसाबैलकार धोलकें आनी शेनायेच्या सुरांत गणसाबैलाकडल्यान तरेकवार खेळ करून घेता.

हिंदू – किरिस्तांव असो भेद करनासतना गणसाबैलाचो दर घराकडेन खेळ जाता.

''ये रे ये रे बसवराज''

म्हणत गणसाबैलकार, गणसाबैलाक घेवन लोकांच्या दारांत येता आनी मागीर

''नंदी आला रे म्हादेवाचा'' म्हणत गावंक लागता. गायता गायता तो गणसाबैलाकडल्यान तरेकवार खेळ करून घेता.

दुपारचा पार हा
गायचा गोऱ्हा हा
नंदी बघ कोण हा
एक पांय मोडून,
राम राम भक्ती दे !
बसवा राम राम भक्ती दे !

अशें म्हणत ताका दिमी मोडूंक लायता.

आपल्या मेल्ल्या पितरांच्या आत्म्याक शांती मेळपाखातीर गणसाबैलकाराकडल्यान 'कूळ' गावन घेतात. कुळीचें गायन सादारण अर्दवर चलता, त्याखातीर ताका खाशेलो विडो दिवंचो लागता.

ऐसे दान कोणी केले
म्हाज्या (पंढरी) दादाच्या
पोटी बाळ जल्मला
वंशाला धनी जाला
आज वर्साच्या दिमान
नंदी आला म्हादेवाचा
आठवण पडली (नातीला)
आपल्या आज्याच्या जिवासाठी
सोडल्या पदराच्या गांठी !

अशी 'कूळ' गायनाची सुरवात जाता.

हिंदूच्या घरांनी गणसाबैलाची पुजा करपाची चाल आसा. गणसाबैलाक घराघरांनी 'दान' दितात. तशेंच गणसाबैलकाराकय ताच्या खेळाचो मोबदलो म्हण भात दितात. ल्हान भुरग्यांच्या व दुयेंतीच्या भोंवतणी वुंवाळून एकाद्रें नवें वस्त्र गणसाबैलाच्या फाटीर वडोवपाची चाल आसा.

आंगवणी करून 'गणसाबैल' करपाखातीर बैल सोडटात. रानांत सोडिल्ल्या अशा बैलाक मागीर गणसाबैलकार सोदून हाडून पोसता, ताका खेळ करूंक शिकयता. 'मूळ' नक्षत्राचेर जल्मल्लो बैल धनयाक वायट आसता असो समज आशिल्ल्यान अशा बैलाकय (ल्हान पाड्याक) रानांत सोडटात. ताका मागीर गणसाबैलकार व्हरता.

पूर्विल्ल्या काळार गणसाबैलाचो खेळ हो गणसाबैलकाराच्या पोटाचो प्रस्न सोडोवपाचो धंदो आसतालो आनी तो दुसरो कसलोय वेवसाय करनाशिल्लो. आज ह्या घराण्यान थोडे शेत-भात रोवप सुरू केला. गणसाबैल करपाच्या बैलाक मात जोताक बांदनात.

गणसाबैलकाराचें घराणें जरी आज शिरवय गांवांत स्थायीक जाल्ले आसले तरी एकेतरेन ते हेडगेंच घराणें. गणसाबैलाचो खेळ करूंक एकदां भायर सरले म्हण्टकच ते म्हयने म्हयने हेडत उरतात.

गणसाबैलकारांच्यो बायलो, सुयो, दाभणां, पिड्डुको, गंगावनां, दोरयां झेले बी विकतात.

आंध्रप्रदेशांत गणसाबैलकाराक 'गंगेड्डू' म्हण्टात जाल्यार महाराष्ट्रांत 'नंदीवाले'.

☆ ☆ ☆

गोंयभायल्या कलाकारांनी गांवांत येवन सादर केल्ल्या लोकखेळांची थोडेभितर माहिती अशी :

गारूड्याचो खेळ :

सादारणपणान नागपंचमीच्या दिसांनी 'गारूडी' गांवांत येता. येतना आपल्या बरोबर एका बंद पेटाऱ्यांत तो कांय सोरोप घेवन येता. गांवांत येवन तो पिंपळा पेडाकडेन बसता, पेटारो उगडून पुंगी वाजयता. पुंगेच्या तालार, पेटाऱ्यांतले नाग आपली फडा उबारून नाचतात. हो खेळ पळोवपाक एकातेंपार भुरग्यांबरोबर जाण्टेय गर्दी करताले.

गारूड्याक मागीर गांवचे लोक भात–तांदूळ वा पयशे दितात. ताच्या बरोबर एक भुरगोय येता. भात–तांदूळ पुंजावपाचें काम तो करता.

वास्वेलाचो खेळ :

वास्वेलाचो खेळ करप्याक वा वास्वेल घेवन गांवांत येवप्याक महाराष्ट्रांत, 'दरवेशी' म्हण्टात. दरवेशी सांगता तशे तरेकवार हावभाव करून वास्वेल दाखयता. घर–घरांनी भोवन तो वास्वेलाचो खेळ करता.

दरवेशी वास्वेलाचे केंस घालून मंत्रयल्ल्यो 'तावजी' विकता. वास्वेलाचे केंस आंगार दवरल्यार दिश्ट–नदर वा वारें–सुत्राची बाधा जायना अशें मानतात.

डोंबाऱ्याचो खेळ वा नाडपेन्न :

डोंबाऱ्याचें पुराय कुंटूंबच गांवां–गांवांनी खेळ करूंक भोंवता. तांच्या कुंटुंबाचो एक मुखेली आसता. कुंटुबांतलो दर एकटो मनीस खेळांत भाग घेता.

आमोणें गांवांत पिंपळापेडाकडेन डोंबारी खेळ करपाक जमतात. आयले म्हण्टकच धोलकें वाजोवन आपूण आयिल्याची बातमी ते गांवच्याक कळयतात. उपरांत लोक जमले तशीं तरेकवार नाडपेन्नां ते करून दाखयतात. लांब दांड्यावयल्यान सकयल उडकी मारप, दोरयेवयल्यान चलप, उज्यांतल्यान चलप, लागोट्यो मारप अश्यो जायत्यो कसरती ते करून दाखयतात. तांच्या बरोबर एकाद्रो मेंढरो, बोकडो वा खेतें आसता. तांचेकडल्यानय डोंबारी तरेकवार खेळ करून दाखयता.

खेळ पळोवपाक येवपी लोक डोंबाऱ्याक तांदूळ, भात वा पयशे दितात. जेवण वा पोरने कपडेय ते लोकांकडल्यान मागून व्हरतात.

जादुचो खेळ :

जादुचो खेळ करपीय लोक गांवांत येतात.

गांवांत येतकच तांच्या पंगडांतल्यो बायलो व्हड–व्हडान धोलकें वाजोवन गांवच्या लोकांक

तांचो पंगड आपिल्यार्चे कठीण करतात. तांच्या खेळांत फकत दादलेच भाग घेतात. दादले ह्या वेळार खेळ करतात तेन्ना बायलो गांवांत भोंवन जेवण वा पोटाक कांई धान्यकणी मागून एकठांय करतात.

भोवरूप्याचो खेळ :

महाराष्ट्र तशेंच कर्नाटकांतल्यानय 'भोवरूपी' गांवात येता. देव देवतांची तशेंच जनावरांचीय सवंगां घेवन तो गांवच्या लोकांचें मनरंजन करता. ताच्या बरोबर आशिल्ले ढोलके वाजोवन ताका सांगात करतात.

बावल्यांचो खेळ :

बावल्यांचे खेळ करपी लोकय शेजारच्या कर्नाटक, आंध्रप्रदेश आनी महाराष्ट्रांतल्यान आमोणें गांवांत येतात. तांचो 'खेळ' म्हणजे पुराणकथानकांचेर आदारिल्लें एकेतरेचें नाटकच आसता. सुत्रधार बावल्यांक फावो तश्यो नाचोवन तांचे संभाशण आपूणच उलयता.

'लाकडाच्यो' आनी 'चामड्याच्यो' अश्यो दोनयतरेच्यो बावल्यो घेवन खेळ करपी गांवांत येतात (एका खेळ करप्याकडेन एकूच तरेच्यो बावल्यो आसतात).

खेळ सोंपल्या उपरांत गांवचे लोक तांकां भात वा तांदूळ दितात.

ह्या शिवाय एकोडी बावली घेवनय खेळ करपी गांवांत येता. हे बावलेक 'साळूबाय' अशें म्हण्टात. साळूबाय चड करून महाराष्ट्रांतलेच लोक घेवन येतात.

साळूबाय घेवन येवपी एकोडोच आसता. दाव्या हातान तिपरी वाजोवन उजव्या हातान साळूबायचे फाटीक धरून तो तिका फावो तशे हावभाव करपाक लायता (फाटीं भितर हात घालून चावी घुंवडायता) आनी घर-घरांनी भोंवता. हें करतना ताचें गीतां म्हणप चालू आसता. ह्या गीतांच्या तालारच तो साळूबायक नाचयता.

२. हौशी खेळ

हौस म्हण खेळपाचे जायते खेळ एकातेंपार आमोणें गांवांत दिश्टी पडटाले. जाण्टे-नेण्टे, दादले-बायलो सगळींच जाणां आपले दिसपट्टे जिणेंतल्या विवंचनेंतल्यान मन रमोवपाखातीर कसले ना कसले तरी खेळ खेळटालीं.

हौस म्हण खेळ्ळे आसले तरी ह्या खेळांनीय एक शास्त्र आसतालें, एक कायदो आसतालो. रडी खेळटल्याक ख्यास्त जाताली, नितीन आनी हुशारेन खेळून जैत मेळयतल्याक शाबासकी मेळटाली.

ह्या खेळांतल्यान मनशाच्या मनाचो आनी कुडीचो विकास जातालो. जिणेंतल्या हार–जैताक तोंड दिवपाचीं बियां ल्हानपणासाकुनच भुरग्याच्या मनांत किल्लतालीं.

आज मात क्रिकेट–फुटबॉल सारक्या पश्चिमी खेळांनी आनी टि.व्ही., सिनेमा सारक्या मनरंजन साधनांनी शेकड्यांनी वर्सांसाकून चलत आयिल्ल्या ह्या पांरपारीक खेळांचें नाव–निशाण लेगीत गांवांतल्यान पुसपाचो संकल्प केला अशें दिसता. ताबलां, तोंडे–बाल, काजू–बियांचो वा फातरांचो खेळ अशे कांय वेंचीक खेळ आज केन्ना तरी चुकून गांवांत खेळिल्ले दिसतात. मात धर्माकडेन संबंदीत आशिल्ले खेळ एक धार्मिक बंदन म्हण आजय न चुकता खेळिल्ले पळोवंक मेळटात.

कालमेरेन गांवांत खेळटले खेळ एकठांय करून जर तांची एक यादी केली तर ती अशी जातली:

धार्मिक संबंद आशिल्ले खेळ फुडल्या प्रमाण :

दादल्यांचे खेळ

१) सोडोचो खेळ

बायलांचे खेळ

१) मोर आनी वागाचो खेळ
२) घोणचें पिलाचो खेळ
३) कासाचो (शिकार) खेळ
४) मडक्यांचो खेळ

धर्माकडेन संबंद नाशिल्ले खेळः

भुरग्यांचे खेळ

१) आंगश्या–मांगश्यांचो खेळ
२) घुंवनाळयांचो खेळ
३) आणकू–माणकूल्यांचो खेळ
४) आप्पड – पाप्पडांचो खेळ

चल्यांचे खेळ

१) भोंवऱ्यांचो खेळ
२) तोंडे – बालाचो खेळ
३) गद्ड्यांचो खेळ
४) लगोऱ्यांचो खेळ
५) पतंगांचो खेळ
६) सोण्ण–पाटयाचो खेळ
७) बडयांचो खेळ

चलयांचे खेळ

१) रांदपाचो खेळ
२) फातरांचो खेळ
३) कानकुश्यांचो खेळ
४) पोंगऱ्या बियांचो खेळ
५) कांकणां कंवच्यांचो खेळ

चल्यांनी आनी चलयांनी वांगडा खेळपाचे जोडखेळ :

१) कुट्टुऱ्यांचो खेळ
२) आसपासाचो खेळ
३) सोण्ण–पाटयाचो खेळ
४) 'खो'चो खेळ
५) वेंटयाचो खेळ
६) लंगडयाचो खेळ
७) मिठाचो खेळ
८) काथ्याचो खेळ

वयर दिल्ल्या खेळांमदल्या देव–धर्माकडेन संबंदीत कांय खेळांची आनी भुरग्यांच्या खेळांची थोडेभितर माहिती अशी:

धार्मिक संबंद आशिल्ले खेळ

सोडोचो खेळ : हो खेळ वर्साक एकदांच खेळपाचो आसता. शिगम्याची भोंवर मध्यानरातीं

वडापाणंटयार गेली की न्हावंचे पयली हो खेळ थंय सड्यार बसून खेळटात. हो खेळ दोग दोग जाणांनी खेळपाचो. भोंवरीक बरोबर व्हेल्लो दांडो, दोनय वाटेन एक एकटो रावन वोडटा. जाचेकडेन दांडो येता तो जिखता.

मोर आनी वागाचो खेळ : हो खेळ धालांच्या मांडार बायलो आनी चलयो मेळून खेळटात. एक मोठीशी बायल 'वाग' जाता तर एक सुंदरशी चली 'मोर' जाता. धा–पंदरा बायलो एकमेकांच्या हातांत हात घालून 'पांजरो' तयार करतात.

मोर पांजऱ्याच्या भितर आसता, तर पांजऱ्याभायर वाग आसता. खूब वेळ पांजऱ्यांत भितर सरून मोराक खावपाचो तो यत्न करता पूण ताका तें शक्य जायना. जेन्ना वाग पांजऱ्यांत भितर सरता तेन्ना सट्ट करून मोर भायर सरता, जेन्ना वाग भायर येता तेन्ना मोर धांवत भितर वता, अशें खूब वेळ चलता. शेवटाक एकदाचो मोराचेर झोपय घालून वाग ताका खाता आनी खेळ सोंपता.

वाग मोराचो खेळ हो एकेतरेचो नृत्यखेळ. हो खेळ खेळटना वाग आनी पांजऱ्यामदीं फुडलेतरेचें संभाशण जाता :

वाग : आज मोर खंय खंय ?
पांजरो : सवर्ण पिकलां थंय थंय !
वाग : आज मोगराची कळपुटी !
पांजरो : शिक्या बांदल्या नळकुटी !
वाग : आज मोराक खातलो !
पांजरो : खायना कित्याक पापया !
वाग : पारदियाचे बंदुके सोनेरी गुळे !
पांजरो : पारदी मेणे भायर सल्ले खोटे वेळे !
वाग : आरे मोरा–गोमेरा !
पांजरो : पिलां सोडून आयलो घरा !
वाग : आज मोर हिरी !
पांजरो : हागलो बामणाले खिरी !
वाग : आज मोर कात्रां !
पांजरो : हागलो बामणाल्या धोत्रां !
वाग : आज मोर चोडणां !
पांजरो : हागलो बामणाल्या फोडणां !

वाग : आता मोराक खातलो !
पांजरो : खायना किल्याक पापया !
वाग : आता मोराक घल्लो, आता मोराक खा ऽऽ लो !

घोणचें पील : घोणच्या पिलाचो खेळ बायलो धालांच्या मांडार खेळटात. हो एक नृत्यखेळ.

एक बायल 'घोण' जाता. घोण जावपी बायल [illegible] काडटात. एक बायल 'कोंबी' जाता. हे कोंबयेचीं 'पांच पिलां' आसतात. हया पिलांमदलें [illegible] पील घोणीक जाय आसता. कोंबी जाय ते तरेन घोणीक आडायता पूण निमाणें घोण पिलाक व्हरताच.

घोण--कोंबयेमदीं चलपी संभाशण आनी तांचो नाच पळोवपासारकोच आसता. दोगांय [illegible] फुलयल्ल्याभाशेन हात करुन आनी खुशेन पांय वडोवन नाचतात. [illegible] फाटल्यान दडत धाकल्याक सांबाळटात.
हया खेळाचें पद अशें :

घोण : हांगा आसा म्हाजें घोणचें पील !
कोंबी : हांगा ना तुजें घोणचें पील !
घोण : हांगाच आसा म्हाजें घोणचें पील ! मुपा तळा धाकलेलें !
कोंबी : कोणें गो रांडलान देखलेलें ? वण्टीवयल्यान गेलेलें !
घोण : हांगा ना तुजें घोणचें पील !
कोंबी : हें पळय, म्हाजें घोणचें पील ! हेंच म्हाजे घोणचें पील !

धर्माकडेन संबंद नाशिल्ले भुरग्यांचे खेळ

ल्हान भुरग्यांच्या खेळाक सोबीत गीतां जायच. हीं गीतां केन्ना भुरग्यां आपूण जावन म्हण्टात तर केन्ना तांचेखातीर जाण्टीं म्हण्टात. चलो वा चली हया लिंग बदलाप्रमाण गीतांतलीं उतरां बदलतात.

आंगश्या–मांगश्याचो खेळ : भुरग्याची आवय वा हेर कोणय जाण्टो आपूण जमनीर न्हिदता आनी आपल्या पावलांचेर भुरग्याक उबो करुन पांय फाटीं–फुडें नाचयत म्हण्टा :

आंगश्यो मांगश्यो !
कितले भोवे ?
धा – बारा !
एक कोणाक ?
एक (बाबाक)
दुसरो कोणाक ?
दुसरो मामाक !
तिसरो कोणाक ?
---------- !

अशेतरेन घरातंल्या सगळ्यांचीं नांवां घेवन भुरग्याक खेळयतात. ह्या खेळाक लागून भुरगें आपले कुडीचो भार सांबाळूंक शिकता.

घुंवनाळ्यांचो खेळ : आपल्याच भोंवतणीं घुंवनाळ्यो काडून खेळपाक भुरग्यांक खूब मजा दिसता. हो खेळ भुरग्यां केन्ना एकोड्यांनीं खेळटात, तर केन्ना दोग–तीग जाणां एकठांय जावन खेळटात. ह्या वेळार गायतात :

आनाळ्यो, घुनाळ्यो
वाटल्यो तांबये
काडा गे !
मामालो बैल
येयला गे !

अशेतरेन आपल्याक आवडटा तांचीं नांवां घेवन भुरग्यां हो खेळ खेळटात.

आणकु–माणकुल्यांचो खेळ :

ह्या खेळांत जायतीं भुरग्यां एक जावन एकमेकांक तेंकून आसनमांडी घालून वांटकुळीच बसतात, आपले दोनय हात आपल्यामुखार उदारे दवरतात. मदीं जाल्या वर्तुळांत एकटो बसता आनी आपल्या उजव्यान सुरु करून हाताक मेळटा त्या भुरग्याच्या तळव्यार आपली 'तर्जनी' फिरोवन गावपाक सुरवात करता :

आणकु माणकुल्यो
सवाय मिळाल्या
कुरकुटांत बसलां माजर
पेज कर गो माजरा
शिरोडेची कायल
बांदोडेचो दोयलो
कोणाक जाय धुमको ?
काय चि ऽऽ मटो ?

'धुमको' वा 'चिमटो' ह्या मदलें कितेंय एक जाय अशें मागतलोकच 'आणकु-माणकुल्यो' घालपी तशें त्या हातार करता.

एक-एक करुन सगळ्यांक 'आणकु-माणकुल्यो' घालपाक वेळ मेळटा.

आप्पड – पाप्पडांचो खेळ :

ह्या खेळांत भुरग्यां वाटंकुळींच बसतात. एक भुरगो आपल्या दाव्या हाताचो तळवो जमनीर उदारो दवरता. हेर भुरग्यां मागीर त्या हाताचेर एकार एक अशे आपले दोनय हात उमंद दवरीत वतात. सगळ्यांत पोंदा जो आपलो तळवो दवरता तो आपलो उजवो हात सगळ्यांत वयर आशिल्ल्या हाताचेर आरतो -परतो आपटीत म्हण्टा :

आप्पड, पाप्पड
चेंडू लाडू
कांसाळेचें पान
धर गे बिंबे
म्हाजो खान !

इतकें म्हुणून थापटुवपी, थापटिल्लो हात काडून ताच्या कुशीच्या भुरग्याच्या खांदार दवरता आनी मागीर दुसरो हात थापटूंक घेता. अशेतरेन सगळे हात थापटून जातकच तो आपलेय हात थापटून आपल्या कुशीक आशिल्ल्या भुरग्यांच्या खांदार दवरता आनी मागीर एकमेकांच्या गळ्याक गळो घातिल्ले अवस्तेंत घोलत गायतात :

क्यांव -म्यांव
घरे खांव !

पाणोत्याचें,
उदक पिवं !

उपरांत '**कातकुतल्यो !**' म्हणत एकमेकांक कातकुतल्यो करीत पोटभर हांसतात.

दुयेंसां आनी उपाय

वांशीक, वशाचीं (सांसर्गीक) आनी धाणीचीं दुयेंसां [illegible] गांवांतले लोकय हाका आडवाद नात.

पूर्विल्ल्या काळावयले लोक हीं दुयेंसां एक तर भूत-बाधेक वा दिश्टीक [illegible] लागून जातात अशें मानताले. देखून हीं दुयेंसां ना करपाखातीर ते [illegible] 'तंत्राचो' [illegible] करताले, वा तंत्राचोच एक भाग म्हण वखद [illegible]

अ. तांत्रिक उपाय

पूर्विल्ल्या काळार दुयेंसां ना करपाखातीर जीं तंत्रां वापरताले, तीं [illegible] त्या त्या तंत्राच्या वापरावयल्यान त्या त्या 'तांत्रिकाक' घाडी, बेट, मंत्री, [illegible], हेर अशे तरेचीं नांवां पडटालीं.

आजुनय अशेतरेच्या तंत्रांक मानपी लोक गांवात आसात. तंत्रां जशीं बऱ्याक वापरतात तशीं वायटाकय वापरतात. थारावीक तंत्रां करपाची विद्या थारावीक घराण्याक [illegible] आसता. बापायलें दायज पुताकडेन येता, पूण कांय कारणाक लागून एकाद्रे वेळ तें दायज पुताकडेन [illegible] नाजाल्यार नातवाक तरी मेळटाच.

कांय तंत्रां वेवसायीक तांत्रिकांकडल्यान करुन घेनासतना घरचे-घरा 'घरगुती उपाय' म्हण करतात.

आमोणें गांवाकडेन संबंद आशिल्ल्या वेवसायीक तांत्रिकांची थोडे भितर माहिती अशी :

घाडी :

घाडी आपलें तंत्र वायट आनी बऱ्याक दोनय खातीर वापरता.

भूत-बाधा जाल्या असो दुबाव येत जाल्यार ती काडपाखातीर लोक घाडयाच्याच म्हऱ्यांन वतात. घाडी मागीर 'घाडपण' करून ती भूतबाधा आनी हेर करणी – नड पयस धांवडायता.

आमोणें गांवांत अशे घाडी नात, पूण शेजारच्या काकोडें गांवांत घाडी आसात. तांच्या म्हऱ्यांत आमोणें गांवचे लोक वतात.

लिंबू, तांतीं, कोंबयेचें काळें पील, काळे कोंबयेचें पांख, तीन रंगांचीं फुलां, काजळ, कुकून,

हळद, तांब्यापयसो, बावली, नाकूट, शिता उंडी, जेवणाचे पदार्थ ह्या सारक्यो वस्ती घाडी आपले तांत्रिक उपाय करपाखातीर वापरता.

मंत्री (मांत्रिक) :

मंत्रांनी दुयेंस बरें करप्याक 'मंत्री' वा 'मांत्रिक' म्हण्टात. मंत्री आपलें तंत्र बऱ्याक तशेंच वायटाकय वापरता. मंत्र्याक स्वता जायतीं पथ्यां पाळचीं पडटात. ताका अनवाळेपण खरपणान पाळचें लागता. गिराणाच्या वेळार वेध सोंपसर कमरभर उदकांत रावन ताका जप करचो लागता.

दिश्ट—बाधा पयस करपाखातीर मंत्री मंत्रयल्लो दोरो वा तावज आंगार दवरपाखातीर दिता. एकाद्र्या कडल्यान सोरोप दुखवत तर मंत्री त्या मनशाच्या आंगार दवरपाखातीर तांदूळ मंत्रून दिता. मागीर सोरोप ताचे वाटेक वचना. घरांत सोरोप येवन रावत तर ताका आपल्या मंत्रांनी 'मोनो' करुन घेवन वचपाची शक्त मंत्र्याकडेन आसता.

दुयेंतीक मंत्र्याकडल्यान 'झाडो' घालून घेतात. दुयेंसाचें मूळ जाणून घेवपाखातीर तो आशे वा घुलो मांडून गणीत करता आनी त्या त्या प्रमाण मंत्र म्हुणून उपाय करता.

बंट/बंटीण :

बंट/बंटीणपण वंशपंरपरेन मेळना. जाका सपनांत येवन देव दृश्टांत दिता तोच बंट/बंटीण जाता. एकाद्र्या मनशाक जटो येवपाक लागल्यो की ताचेर 'देव आयला' म्हणपाचो समज जाता. उपरांत कुळदेवाचो प्रसाद घेवन खंयच्या देवाची ताचेर दृश्टी आसा हें जाणून घेतात. मागीर त्या देवाच्या नांवान तो मनीस 'देवस्पण' करता. बिबूत, कळी, आसो बी दिता. लोकांचे प्रश्न आयकून फावो तें तंत्र करता. चड करून आपल्या देवाच्या दिसाच तो हें तंत्र करपाखातीर 'पाटार बसता'.

बऱ्याक तशें वायट कामाकय बंट/बंटीण आपलें तंत्र वापरता.

हरशीं घाडी—मंत्री जावपाचो अधिकार त्या त्या घराण्यांतल्या फकत दादल्यामनशाकच आसता मात बंटपण करपाचो अधिकार बायलमनशेकय मेळटा (बंटीण).

ज्योतिशी :

जल्मकुंडली व हाताच्यो रेशो पळोवन जो ज्योतीश सांगता तो ज्योतिशी. वायट गिऱ्यांक लागून केन्ना संकश्ट येवपाचें आसा केन्ना बरो योग आसा हें सगळें ज्योतिशी सांगता.

वायट गिऱ्यांक लागून येवपी संकश्ट वा जावपी दुयेंस पयस करपाखातीर जप, पुजा, व्रत अशेतरेचे उपाय करपाक सांगता.

पीर :

पीर हो मैर वा मुसलमान समाजांतलो तांत्रिक. तो मंत्र कागदाखाल्तीर बंद करून [illegible] उपेग करता. दुयेंतीच्या आंगार बांदपाखातीर तो मंत्रयल्ली चीट दिता. चीट म्हणल्यार मंत्र बरयल्लो कागदाचो कुडको.

चीट आयतार वा बुधवार दिसा तिनीसांजेच्या वेळार काय सकाळ सूर्योदय जावन काळ्यादोऱ्यान दुयेंतीच्या आंगार बांदपाची आसता.

आगोणें गांवच्या शेजारच्या शिरवय गांवांत 'पैरां बाबचो' एक पीर आसता. आगोणें गांवचे हिंदू समाजांतले लोकय तांच्या म्हऱ्यांत चीट हाडपाखातीर वतात.

वयर सांगल्यांत तितलेय तरेचे तांत्रिक पयणे येनात. तांकां 'मात्रा पद' दिवन [illegible] करतात.



पयलीं सांगलां ते प्रमाण 'भूतबाधा', 'दिश्ट' वा 'रेच' ह्या तिनांय गजाली खंयचेय एक कारण प्रत्येक दुयेंसा फाटल्यान आसा असो पूर्विल्ल्या लोकांचो समज आशिल्लो. दिश्ट आनी रेच एकतेक घरगुती उपायांनी निवळावंक मेळटाले पूण भूतबाधा निवळावंक मात्र तांत्रिकी उपचार करचे पडटाले.

भूतबाधा :

भूतबाधा जायत तर त्या मनशाक सामको सुकतडो लागना. खाल्ले – जेविल्ले आंगाक लागना. जेवणा–खाणाची रुच उरना. काम–धंद्याक मन लागना. तांची सगळी तुरच बदलता. आत्ता एक जाग्यार दुखता म्हणसर आत्ता दुसऱ्या जाग्यार दुखता असो समज आसा.

लागिल्लें भूत जर सामकेंच खर आसत तर बाधा जाल्लो मनीस व्हड–व्हडान आड्डता, रडटा, हांसता. कोणायचेंय नांव घेवन आपल्याक 'तो' लागला म्हण सांगता. मागीर ताचेभशेन आपूण उलोवंक लागता. ताच्यो सगळयो खाणो – खुणो सांगता. अशेतरेची भूतबाधा जाल्याक 'पिशें लागलां' अशेंय म्हण्टात.

एकाद्रे बायलमनशेक, दादल्यामनशाचे भूत लागत तर ती शिगार–विडी ओडटा. एकाद्र्या दादल्यामनशाक बायलमनशेचें भूत लागत तर तो बायलेभाशेन न्हेसता, फुलां माळटा, कांकणां घालता, कुंकूम बी लायता. बायलांसारक्या बारीक आवाजान उलयता.

आंकवार चलयेक जर अपघाती मेल्ल्या एकाद्र्या आंकवार चल्यान झपाटत जाल्यार ताका निवळावपाक खूबच त्रास पडटात. तशीच गजाल एका आंकवार चल्याक आंकवार चलयेन झपाटल्यार घडटा.

जायते फावट एकाद्र्या मनशाक भूतान झपाटत जाल्यार ताका 'भयरो–जळप' लागता असो समज आसा. भयरो–जळप लागता तेन्ना त्या मनशाक एकेतरेची मानसीक विकृती येता. भयरो–जळप दादल्या–बायलेक,जाण्या–नेण्याक कोणाकय जावूं शकता. भयरो–जळप लागिल्लो मनीस एकूच काम गरज नासतना खूब फावट करता. कांय जाणांक 'उलोवपाचो' भयरो–जळप जाता. तो दिसभर उलय उलय उलयता. कांय जाणांक दिसभर 'धू–पूस–निवळ' करपाचो भयरो–जळप लागता. कांय जाणांक मेळत ताका पांय पडपाचो भयरो–जळप लागता जाल्यार जाण्ट्या बायलांक 'अनवाळें' करपाचो भयरो–जळप लागता. भयरो–जळप लागिल्ल्या मनशाची सगळी नुराच बदलता. वेवस्थीत खायना – जेवनाशिल्ल्यान तो सामको अशक्त जाता, ताच्या आंगाचे कातीचो रंग लेगीत धवसार पडटा.

देवाची प्रसाद पाकळी घेवन–भयरो जळप निदळायतात. कांय भयरो–जळप सामके खर आसतात ते त्या मनशाच्या मरणाबरोबरच वतात.

भूतबाधा निवळावपाचे कांय उपाय अशे :

आंसो काडप :

भूत सामकें थंड आसत तर हो उपाय उपकारा पडटा. हें पयलें पावल.

भुरगें एकसारकें रडूंक लागलें वा एकाद्रो मनीस मात्सो भियेल्ल्यासारको करूंक लागलो म्हण्टकच मंत्र्यागेर वचून 'आंसो' काडटात. म्हणजे आंशे मांडून कितें घडलां तें पळयतात.

आंगार दवरपाक वा खावपाक मंत्री आंसो दिता. आपल्या कुळदेवाक वा ग्रामेदवाक 'फळ' वा 'विडो' उखलासूनय दवरुंक सांगता. उपरांत बाधा जाल्लो मनीस निवळटा.

प्रसाद घेवप :

आंसो काडूनय दुयेंत निवळलो ना जाल्यार मागीर दुसरो उपाय म्हण आपल्या कुळदेवाचो वा ग्रामदेवाचो प्रसाद घेतात.

आमोणें गांवचे लोक आपल्या ग्रामदेव चंद्रेश्वराक दोनकडेन प्रसाद लायतात. एक मुळसांतल्या शंकभैरांवाच्या देवळांत आनी दुसरो थळांतल्या जल्म्याच्या मठांत. शंकभैरांवाच्या देवळांत प्रसाद 'पाटाक' लायतात. थंय पिटकोळेच्या कळयांचो प्रसाद आसता. जल्म्याच्या मठांत 'प्रभावळीक' प्रसाद लायतात आनी तेखातीर पिकिल्ल्या करमलां पानांचे कुडके वापरतात. अवडें – घुड्यावयल्या श्री शांतादुर्गा – चांमुडेश्वरीच्या देवळांत लिंगाकृतीक प्रसाद लायतात आनी तेखातीर तुम्या फुलांचो वापर करतात.

बाधा जाल्लो मनीस एकाद्र्या देवाचे 'मागणेचो' आसत तर त्या देवाकडेनय प्रसादाक वतात.

प्रत्येक देवळांत प्रसाद लावपाचें तंत्र वेग-वेगळें आसता. त्या त्या [illegible] उजवी, डावी, माथ्यावयली, पांयांकडली अश्यो कळयो मागतात. कळी पडपाक जशी वड – थोडी वेळ लागता त्या प्रमाण नड, भूतबाधा, करणी, जादू, [illegible] अशी तरेंतरेंचें निदान करतात. [illegible] उपायय सांगतात. 'राखणेची कळी' गेल्ली म्हणटकच 'भंग ना' अशें मानतात. [illegible] जाण्ट्यामनशाक प्रसाद घेवपाचो आधिकार आसता. जर ताका प्रसादाक वयर [illegible] तर ताणें दुसऱ्याक 'उतर' दिवंचें लागता.

प्रसादाची कळी खावपाक वा आंगार दवरपाक दितात. 'राखणेची कळी' देवाम्हऱ्यांत (घरांत) व्हरून दवरपाची आसता.

घाडी खुदोवप :

लागिल्लें भूत सामकें अचाट आसत आनी तें जर गोड उतरांनी वचना आसत तर ताका ताचेच पध्दतीन धांवडावपाचें आसता. म्हणजे घाडी खुदोवन ताका भंय दाखोवन धांवडावपाचें आसता.

[पयलीं 'जाणभास' येवपी गांवचो गांवकार असल्यावेळार धुवें गाडून भूतबाधा जाणून घेतालो आनी गांवच्या खुंटये-जल्म्याक सांगणे करून राखण मागतालो. आतां गांवकार घरान्यांत जाणभास कोणाक येना मात संकश्टाच्या वेळार खुंटये- जल्म्याक 'सांगणें' वा 'गाराणें' घालपाची चाल आसा.]

बाधा जाल्ल्या मनशाक घाडी आपल्या मुखार बसोवन खुदूंक लागता. खुदतना ताच्या तोंडांतल्यान ''हू .... हूं ... हूं....'' असो आवाज येता. तकली मान हालोवन तो भूत आयिल्ल्याभाशेन वागता. तो भूताक म्हणजे बाधा जाल्ल्या मनशाक तरेकवार प्रश्न विचारता, ताका तरेकवार आमीशां दाखोवन वचूंक सांगता. जर तें भूत वचूंक तयार जालेना तर ताका भिरांत घालता, 'चिंचे-सोप' घेवन ताका यतीश्ट बडोवंक लागता. मार सोसूंक जायना जातकच तें भूत मागीर वचपाचें उतर दिता. भूताक बाटलेंत भरुन व्हंयेचे खाडींत व्हरून बडोवपाचेंय भय घालतात. खाडींतल्या देंवचाराक भूत भिता असो समज आसा.

भूतान घाडयाक वचपाचें उतर दितकच बाधा जाल्ल्या मनशान धांवत वचून जर जमनीक घांस मारत तर ताच्या आंगावयलें भूत गेलें अशें मानतात. मागीर त्या मनशाचे सगळे कपडे भायल्या भायर काडून वडोवन, उदकाचो घोट दिवन आनी दोळ्यांक उदक लावन ताका घरांत भितर हाडटात. काडून वडयल्ले कपडे मागीर त्या मनशान परत केन्नाच घालूंक जायनात, तशेंच ते राती भायर सरुंक जायना असो समज आसा. घाडी तिनिकात्रीचो खुदयतात.

ल्हान भुरग्याक भूतबाधा जावंनये म्हण तांच्याम्हऱ्यांत तिनिकात्रीचो धूप-हूद जळटात. भूत लोखणाक भिता असो समज आशिल्ल्यान न्हिदतना हांथुणापोंदा लोखणाची एकाद्री वस्त दवरतात. ताका लागून भूत सपनांत येना वा न्हिदिल्लेकडेन येवन त्रास दिना असो समज आसा. एकाद्र्या

जाग्यार पडत जाल्यार, थंयची मूठभर माती दाव्या हातांत घेवन त्या मनशाभोंवतणी तिनदां वुंवाळून वडयत आनी जमनीवयले मातयेन ताच्या कपलाक तीट करत जाल्यार थंयच्या 'वाऱ्याची' (भुताची) ताका बाधा जायना असो समज आसा.

दिश्ट बाधा :

'दिश्ट' म्हळ्यार 'दृश्टी' वा 'नदर'. एकाद्र्या मनशाची नदर खूब खर आसता. ताचे नदरेक जी वस्त बरी दिसता ते वस्तीक तिची दिश्ट वा नदर लागता. दिश्ट लागिल्ली ती वस्त एक तर सामकी पिड्ड्यार जाता नाजाल्यार विद्रुप तरी जाता. एकाद्र्या मनशाक दिश्टबाधा जायत तर तो दुयेंत पडटा, ताका सामको सुकतडो लागता. केन्ना केन्नाय तो मरता लेगीत.

ल्हान भुरग्याक चड करून दिश्ट जाता. सुंदर बायलेक, न्हवऱ्या–व्हंकलेक बी दिश्ट जाता. मनशासारकी घरांत हाडिल्ले नवे वस्तीक, नव्या कपड्यांक, निकतेच व्हियेल्ले गायेक, पाडकाक, जोताच्या बैलांक, पोरसांतल्या झाडाक, नव्यान बांदिल्ल्या घराक, शेताक बी दिश्ट जाता. ल्हान भुरग्याक आनी गुरवार बायलेक चड करुन वांजडे बायलेची दिश्ट जाता अशें मानतात.

ल्हान भुरगें चडच पीर पीर करुंक लागलें तशी ताका दिश्ट बाधा जाल्या असो समज करुन घेवन तिनीकात्रीच्या वेळार तीन मिरसांगों आनी इल्लिशें मीठ मुठींत घेवन ताच्या भोंवतणी तिनदां वुंवाळून दिश्ट काडटात. वुंवाळिल्ल्यो मिठ–मिरसांगो मागीर रांदनींतल्या इंगळ्यांचेर वडयतात आनी भुरग्याच्या दोळ्यार चप्प करुन उदक मारतात.

उदक दोळ्यांचेर पडटाच भुरगें कच्च करून आंग काडटा. अशेतरेन आंग काडलें म्हण्टकच दिश्ट गेली अशें मानतात. उपरांत रांदनीच्या तीन खुरांची घस काडून भुरग्याच्या कपलाक 'तीट' करतात.

जाण्ट्यांक जाल्ली दिश्ट जायते तरेन काडटात. तांतली एक पध्दत अशी : एक नळ्याकैलार पेट्टे इंगळे घेतात. तीन मिरसांगो, इल्लेंशें मीठ, केंस आनी तीन कोनशांचो कोयर घेवन बाधा जाल्ल्या मनशा भोंवतणी तिनदां वुंवाळटात आनी त्या नळ्याकैलाचेर उडयतात. मागीर तो नळो 'तीन धावांचेर' व्हरून दवरतात. वा जाची दिश्ट जाल्या असो दुबाव आसा ताच्या घराकडेन व्हरून दवरतात.

काजळ, कुकूम, हळद, तीन रंगांचीं फुलां, कासव, चिखालो, काळो कोंबो, लिंबू, तांतीं, हरव्यो मिरसांगो ह्या सारक्यो वस्तीय दिश्ट काडपाखातीर वापरतात.

दिश्ट काडपी व्यक्ती सोडून दुसऱ्या व्यक्तीन दिश्ट काडटना पळयल्यार ताका ती बाधा जाता असो समज आसा. तशेंच दिश्ट काडपाखातीर वापरिल्ल्या वस्तींचेर दुसऱ्या मनशाची दांग पडल्यार ताका ती बाधा जाता अशें मानतात. देखून अश्यो वस्ती नदरेक पडल्यार तांचेर थुंकतात.

एकाद्र्या मनशाची दिश्ट जाल्या असो दुवाब येत जाल्यार, दिश्ट निवळावपाखातीर त्या मनशाच्या वापरातलें कसलेंय वस्त्र (वस्त्राचो कुडको) हाडून तें लांसून ताचो गोबोर दिश्ट जाल्ल्या मनशाक लावपाची चाल आसा.

ल्हान भुरग्याक दिश्ट बाधा जायत तर ताच्या भोंवतणी फडकी [illegible] [illegible] [illegible] उज्यांत वडयल्ली फडकी बिलळटना दिश्ट केल्ल्या मनशाचें रूप दाखयता अशें मानतात.

दिश्ट जर व्हडली खर नासत तर घरांतल्या मान्श्याक ती काडप शक्य आसता. पूण वड खर आसत जाल्यार ती 'म्हारा' कडल्यान काडची पडटा. आमोणें गांवांत '[illegible]' कडल्यान दिश्ट काडपाची चाल आसा.

गांवकाराकडल्यान दुयेंतीक 'बिबूत' लावनय घेतात.

दिश्ट घराभायर काडपाची आसता. घरांतले हेर लोक त्या वेळार दार-जनेल बंद करून भितर रावतात. दिश्ट काडल्या उपरांत दुयेंतीक आंगावयले मगळे कपडे [illegible] [illegible] काडून दवरपाक लावन उदकाचो घोट घेवन घरांत भितर येवपाक सांगतात.

दिश्ट काडपी, दिश्ट काडपाखातीर वापरिल्ल्यो वस्ती एक तर गांवचे शिमेभायर व्हरून वा तीन धावांचेर व्हरून वडयता. बाधा जाल्ल्या व्यक्तीच्या आंगावयले कपडे आनी [illegible] [illegible] दवरिल्ली नाल्ल-पड मागीर तो घेवन वता.

दिश्ट जावंनये म्हण जायती खबरदारी घेतात. देखीक:

ल्हान भुरग्याच्या कपलाक – गालाक तीट करतात. ताच्या गळयांत [illegible] [illegible] [illegible] घालतात, हातांक काळे दोरे बांदतात, दिश्टीचीं कांकणां घालतात. [illegible] [illegible] काळें-तांबडें लायतात. जाण्टे-भुरगे गळयांत मंत्रयल्ल्यो तावजी, [illegible] बांदतात. घराक, दुकानाक, नवे गाडयेक दिश्ट लागनये म्हण लिंबू आनी तीन हरव्यो मिरसांगो गुंतून बांदतात. नवें घर वा नवी कसलीय इमारत बांदतकच ती विद्रुप करपी चित्रां काडटात.

दिश्ट लागतकच पोरसांतलीं 'लागिल्लीं' फळझाडां वारो-पावस नासतना आपुणपींच मोडून पडटात असो समज आसा देखून अशी दिश्टबाधा जावंनये म्हण भरपूर फळां लागिल्ल्या झाडांक चामड्याचीं जोतीं बांदतात.

शेतांनी आनी वारयां-पोरसांनी 'बावलीं' करून दवरतात.

गोरवां-वासरांक दिश्ट लागनये म्हण तांच्या गळयाक काळ्या-निळ्या रंगाचे तिरंटे बांदतात, तरेकवार मणयांच्यो माळो घालतात.

रेंचबाधा:

एकाद्रो मनीस कितेंय खातना वा जेवतना जर त्या जेवणाची जित्या तशेंच मेल्ल्या मनशाक वा जनावरांक आशा जावन जर ताणीं आंवडो घोटीत जाल्यार तो जेवपी मनीस दुयेंत जाता असो समज आसा. ताका खाणा-जेवणाची रूच उरना ताच्या पोटांत वळूंक लागता. जेवणाचो वास आयल्यार लेगीत ताका वोंकारे येतात. अशा वेळार ताका 'रेंच' वा 'रेंचबाधा' जाल्या अशें मानतात.

रेंच जायते भाशेन काडटात. सामकी सोप पध्दत अशी :

जे तरेचें जेवण जेवतना रेंच जाला असो दुबाव येता, ते तरेचें जेवण घेवन तें जेवण तिनदां दुयेंतीच्या तोंडा मुखावयल्यान वोडून ताका ''हा ! हा ! हा ! '' म्हणून हुस्कार सोडूंक लायतात. तें जेवण मागीर तीन धावांचेर व्हरून वडयतात.

ल्हान भुरग्याचो रेंच काडपाची पध्दत अशी :

भुरग्याक चड करून दूद पितनाच रेंच जाता देखून ताका दूद पिवपाक लायतात. बोमांतलें अर्दे दूद पिवन जालें तशें तें एका ताटांत वोत्तात. पेल्यांत पेट्टे इंगळे घेवन ते भुरग्याच्या तोंडामुखावयल्यान तिनदां वोडटात आनी भुरग्याक तिनदां ''हा ! हा ! हा !'' अशें म्हणपाक लायतात. (रेंच काडपी आपुणच म्हण्टा) उपरांत त्या इंगळ्यांचेर सासवां उडयतात. सांसवां पुटपुटलीं म्हण्टकच पेलो ताटांत उमथितात. मागीर भुरग्याची थुंकी बोटान काडून ताटाक लायतात, भुरग्याचो दावो पाय ताटाक लावन ताका भितर व्हरून ताच्या दोळ्यांक उदक लायतात.

ताटांतलें सगळें दूद जर पेल्यांत ओडून येत तर रेंच गेलो अशें मानतात.

जाण्ट्यांक जाल्लो रेंच जर चड खर आसत तर तो काडपाची पध्दत अशी :

दुयेंतीक पेज जेवपाक लायतात. अर्दी पेज ताका ताटांत सांडपाक सांगतात. मागीर घरांतली जाण्टी बायल तांब्याचो एक तांबयो घेता. व्हिराचे दोन कुडके घेवन तांबयाच्या तोंडार एक आरकाटो करता, तेलांत बुडयल्ले तीन तिरांटे त्या व्हिरांचेर दवरतात. सात फातर आनी शिंपयेचे सात कुडके घेवन दुयेंतीच्या तोंडामुखावयल्यान वोडून ते त्या तांबयांत वडयतात. मागीर तांबयांतले तिरांटे पेटयता आनी तो तांबयो घेवन दुयेंतीच्या तोंडामुखावयल्यान तिनदां वोडून ताका ''हा ! हा ! हा !'' म्हणून हुस्कार सोडूंक लायता. उपरांत तो तांबयो पेजेच्या तांटांत उमथिता. बुडू बुडू आवाज जावन जर ताटांतलें सगळें उदक तांबयांत वोडून आयलें जाल्यार ते व्यक्तीक रेंच जाल्लो आनी आता तो गेलो अशें मानतात.

रेंचाच्या ताटार दुयेंतीन थुंकून आपलो दावो पांय ताका लावन भितर वचप आसता. रेंचाच्या तांबयार दाव्या पांयाची, चामडयाच्या जोत्याची व्हाण तेंकोवन दवरपाची आसता. तशेंच सान्नी–मुणोय तेंकोवन दवरतात.

रेंच काडटकच दुयेंतीन उदकाचो घोट घेवन दोळ्यांक उदक लावन वचूंक जाय.

रेंच तिनिकात्रीचो काडटात. रेंचाचें सगळें सामान दुसऱ्या दिसा तीन रस्त्यांचेर व्हरून वडयतात. (ताटांतली पेज–कोळशे बी)

आ. वखदी उपाय

पूर्विल्ल्या काळार दुयेंसां बरी करपाक तांत्रिक उपायांबरोबर गांवठी वखदांय घेताले. हीं वखदां मुखेलपणान झाडपाल्यापासून आनी मुळां–फळांपासून केल्ली आसतालीं.

कांय दुयेंसांचीं वखदां खाशेल्या मनशांकच म्हणटे वैजांकच खबर आसतालीं. तरीपूण कांय दुयेंसांचे गुळावे उपाय चडशे लोक जाणून आसताले. अशे उपाय वैजांगेर वचनासतना लोक घरच्या घराच करताले.

आमोणें गांवांतय गांवठी वखदां दिवपी वैज आसात. आयच्या वैज्ञानीक वखदांच्या युगांत जरी तांच्या वखदाचें म्हत्व कमी जालां आसलें तरीय आजून ते सामके नपंयच जाल्ले ना. आजय वखदांखातीर लोक तांच्या दारांनी वतना दिसतात.

हे वैज स्वता वखद तयार करतात. तीं वखदां तयार करपाक वापरपाची वनस्पत खंय आसता, ती केन्ना मेळटा आनी तांच्या पासून वखद कशें तयार करतात, हें त्या वखदकाराशिवाय दुसऱ्या कोणाकच खबर नासता. कांय दुयेंसांचे उपाय तर सामके गुपीत दवरिल्ले आसतात. आपलो मरण काळ लागीं पावलो हाची जाणीव जातकच वैज तें वखद आपल्या वारसाक सांगता.

खुद्द आमोण्यांतलें गांवकार घराणें, कामीण, सर्पी, भिंडां, सून, गर्मीरोग, पोटदुखी, धगी, मुतखडो, बारीक जोर असल्या दुयेंसांचेर वखद दिताले. शिवाय धवें आंगार जावप, म्हयन्याची पाळी अनियमीत येवप ह्या सारक्या बायलांच्या दुयेंसांचेरय तांचे कडेन वखद मेळटालें.

बेबो, पाशी, भोंवर, कुरूम, लाग ह्या सारक्या गोरवांच्या दुयेंसांचेरय तांच्या शिवाय दुसऱ्या कोणाक वखद दिवप शक्य नाशिल्लें.

खुद्द आमोण्यात चिंचेमळ वाड्यार रावपी एक फेर्नांदीश आडनांवाच्या घराण्याचो आंगीच्या दुयेंसाचेर वखद दिवपाचो हातखंडो आशिल्लो.

आमोणें गांवांत कांय बायलोय वखदां दिवपाखातीर नामना मेळोवन आसात. गांवांत सगळ्यांत पयलीं आयिल्ल्या बन्ने घराण्यांतले एके सुनेचो आज घोशे, नळ, म्होवे, थंडी, जोर, खोक ह्या सारक्या भुरग्यांच्या दुयेंसाचेर वखद दिवपांत हात धरपी कोण ना. पिरायेचीं सत्तर वर्सां पुराय केल्ली ही बायलमनीस एक कुशळ वैजीण जावनय आसा. तिका तिची विद्या तिच्या मांयकडल्यान मेळ्ळया.

रासय साकून आमोणें गांवांत येवन स्थायीक जाल्ल्या बन्नें घराण्यांतली एक सून, सुण्यान घांस काडटकच वायट बाधीकार जावंचो न्हय म्हण पिवपा खातीर वखद दिना. सात दीस मेरेन पथ्य पाळून हें वखद निराहार पोटार घेवचें लागता.

हें वखद दिवपी बायलमनशेक तिचे आवयन तें तयार करूंक शिकयिल्लें आसा. हे बायलेची पिराय साठीच्या लागीं आसा.

कटो वाड्यावयल्या 'मडगांवकार' आडनांवाच्या घराण्यांत एक बायलमनीस भुरग्यांच्या दुयेंसांचेर वखद दिता. ह्याच वाड्यावयल्या 'नायक' आडनांवाच्या एका घराण्यांत भुरग्यांच्याच दुयेंसाचेर वखद दिवपाची विद्या एके सुनेक मेळिल्ली आसा.



ल्हान ल्हान दुयेंसां घरचे घरा वखदां दिवन वा उपाय करून आजूय बरीं करतात. हीं वखदां वा उपाय घरांतल्या जाण्ट्याक खबर आसताच तेच बरोबर ल्हानांक लेगीत तांची थोडीभोव कल्पना आसता.

थंडी जोर आयल्यार 'कसाय' पिवपाक दितात. हो कसाय म्हणजे तुळशीचीं कणसां, मेथयो, मेथये पालो, बडीशेप, कोथमिऱ्यो, जिरें, पुनर्नवा, परीपाट, वट्टेलांव, हुंदरा कान, पेरी ग्रांकरी आंतनी आंकरी, सणीबियां बी घालून शिजयल्लो कडो.

कुलकुलो येत तर गंजनाची च्या पिवपाक दितात. मिरयांचें उदकय पिवपाक दितात. अडूशाच्या पानांचें कडकडीत उदक करून न्हाणयतात.

थंडी चडून आयल्यार मिरयां वांटून खतखतावन आंगाक काडटात. काजूचो सोरोय काडटात, तशेंच सांसवांचें फेरमेंतय काडटात. सणीबियां वांटून वा वेंखड झरोवन काडटत. ल्हान भुरग्याच्या आंगाक जायफळ, वालीकोडूल सोऱ्यान झरोवन काडटात. सतफळय झरोवन काडटात. आवयचें दूदय माडाच्या पिसुंदरांचेर तापोवन पिवपाक दितात.

जाण्ट्यांक थंडेन सामकें फुगार जाता जाल्यार कोथमिऱ्यो वांटून नाल्लाचो रोस आनी गोड घालून शिजोवन पिवपाक दितात.

कामीण जाल्यार चिंवरी पालो, धवणुकासाल, मेथये पालो बी घालून कडो करून पिवपा दितात. निकटो मेथयेचो पालोय शिजोवन उदक पिवपाक दितात. तांबडया माडाच्या आडसरांचें उदकय खूब गुणकारी अशें मानतात. शिवाय चिंवरी मूळ झरोवन पिवपाक दितात. कांगलीणीचें पाळ वा जांबळीची सालय झरोवन दितात.

फूगांव, उरउरें, सुरसुरें, फुरफुरें बी आयल्यार अपथ्याच्या झाडाची साल झरोवन ताचें गंद आंगाक लायतात आनी पिवपाक दितात. उरउऱ्याक माकडाचो गू खिरोवन उदक करून पिवयतात.

तकली उसळल्यार लिंबांनी, भाणशिऱ्यान वा म्हसकाचे पातयेन कपल शेकतात. मिरयांय वांटून लायतात.

ल्हान भुरग्याक जोर येतकच दंत माथ्याक मारनये म्हण आंगाक कडू काडटात आनी माथ्याक 'कवळ' घालतात. तुमया आंकरी, मोगरे पानां, नरवला पानां, म्हसका साल, पोंगऱ्या साल, मिरयांकण, तीख वोंवो, कडू वोंवो, मानपत्री, कांदो हें सगळें एकठांय करून वांटप आनी एरंडाच्या पानांत दवरून तें मुमरांत हून करप. मागीर ताचें माथ्याक कवळ घालून थोडें आंगाक सारोवप

वोंकारे येत जाल्यार लिंबीणीच्या पानांचे उदक करून पिवपाक दितात. मानपत्री मुड्डून गळयाक बांदतात. सुपारी आनी हळदीचें उदक पिवपाक दितात.

ल्हान भुरग्याक खांक येत जाल्यार व्हडल्या वट्टेलांवाच्या पानांची 'शारप' करून पिवयतात. कांद्याची शारपय पिवपाक दितात. कांटेकुंवरीची वा अडुशाच्या पानांचीय शारप पितात.

घुंवळ आयली जाल्यार शाबुद्दे येवपाखातीर कांद्याचो वास दितात, तशेंच लुगट लासूनय ताचो वास दितात.

थंडी जाल्यार सुंट झरोवन आंगाक काडटात आनी पिठी खावपाक दितात. तकली दुखल्यार सुंट झरोवन गंद कपलाक लायतात.

अर्जीण जाल्यार आल्याचें उदक पिवपाक दितात. उकडे तांदूळ करपून ताचें उदक पिवपाक दितात.

सुण्यान घांस काडल्यार केंसरीचें पाळ झरोवन पिवपाक दितात. (आमगेल्या कुडाळाक नागड्यांनी केंसरीच्यो बियो काडून त्यो धोडावन ताचें उदक गारल्यार बाय्या. मुंगसी घरा येना असोय समज आसा.)

खोरूज वा बुरड जाल्यार कडूलिंबाचीं पानां तिळेल तेलांत करपून ताचें तेल आंगाक लायतात. तुग्याचीं पानां गुड्डून मीठ घालून आंगाक लायतात. मिरयां करपून ताचें तेलय आंगाक लायतात.

एकाद्रें चवन वा फेरीद पेकना जाल्यार कांटेकुवर भाजून त्या फाडार बांदतात. कसलेंय विखार जाल्यार वीखमोगरी वा तायखिळ्याचो पालो वांटून लायतात. घावो वा कोक जावन तर कोरन्याचो दीख वा काजू सोरो घालतात. नाल्ल्याचें उदक आटोवन ताचें तेल करून लायतात. पांयाक कात्रे पडल्यार बिबो लायतात, मेण्टेलय लायतात. आंगाच्या एकाद्र्या भागाक आयिल्ली सूज खूब तेप वचना जाल्यारय बिबो घालतात. गांयडोळ्ळान पांय खाल्यार हळदु धोडावन गंध लायतात. गांयडोळी(झाड) हून करूनय लायतात.

पांय तिवटल्यार (तिरपल्यार) तिवटेचीं पानां हून करून पांयांवयल्यान बेंडटात. पांय कड्डल्यार आंबाड्याची साल हून करून ताचेर पांय दवरून शेक दितात. मान कणल्यार तांदळाची पोटली उश्याक घेवन न्हिदतात. पांय तिवटल्यार वा मान कणल्यार पांयान जल्माक आयिल्ल्या मनशाक त्या जाग्यार दावो पांय तिनदां, तीन फावट वोडूंक लायतात.

मोडशी वा पातळ परसाकडेन जायत तर डाळंबाची साल झरोवन पिवपाक दितात. काजू सोरोय घेतात. आटकेचें मूळय झरोवन पिवपाक दितात. पिटकोळेच्यो कळयो मुमरांत भाजून उदक पिवपाक दितात.

निर्मोळी जाल्यार निर्मोळेचीं फळां झरोवन पिवपाक दितात. माणी लागल्यार मानदत्तो, हींग कडू वोंवों,लसूण एकठांय करून धोडायतात आनी गळ्याक बांदतात.

पोटांत वळल्यार कांदो वा मिरसांगो पोटाक बांदतात.

ल्हान भुरग्याक म्होवें आयल्यार वा तोंड फुटल्यार दुदशिरेचीं मुळां झरोवन तोंडाक लायतात.

जिवाण्यान (नाग) घांस काडल्यार आटकेचें मूळ झरोवन पिवपाक दितात आनी माथ्यार घालतात. घांस काडपी जिवाणें सोरोपच(नाग) कांय कितें ताची खात्री करपाखातीर त्या मनशाक बरकयेचीं पानां आनी मिरयांकण चाबपाक दितात. सोरपान घांस काडल्यार ह्यो वस्ती रूचीक गोड लागतात. वीख काडपाखातीर दांत लागला त्या जाग्याक कोंबयेचें पील लायतात (भोंकान तेंकोवप). पील वीख वोडून घेता आनी मरता. निमाणें पील सामकें तट्टटीत उर मेरेन पिलां लायत

रावूंक जाय.

वीख चडनये म्हण घांस काडला त्या भागावयर घट बांददतात. 'मोराचें पांख' बांदपाची चाल आसा. काणेरान घांस काडल्यार गांयडोळ मुड्डून उदक पिवपाक दितात. शब्द्याच्या पानांचोय रोस पिवपाक दितात.

दुखीक सांत आंग्याचो कडो पिवपाक दितात. आंगाक मयेच्या झाडाची साल शिजोवन ताचो शेक दितात वा खतो काडटात. मीठ, सोलां आनी आशणा साल घालून शिजोवन त्या उदकाचो दूक जाल्या त्या भागाक शेक दितात. जिरें वा अळंबासालीचें कवळ बांददतात. लजेव्हंकलय वांटून लायतात.

आंगाक सूज आयल्यार गोळीच्या पानांचें उदक घालतात.गणसुरंगीचें पाळ झरोवन लायतात. काट्टां भाजून घालतात. रक्तरेड्याचें पाळय झरोवन लायतात.

तोंडाक रगत आयल्यार (सूज) मिठाचे घळघळे घेतात. गोळीच्या पानांचे घळघळे घेतात. गोड आनी चुनो एक करून लायतात.

गालगुटां आयल्यार दुत्र्याचो पालो वांटून खतखतावन लायतात. पिराड्याचे पोले लासून ताचो गोबोर करून लायतात.

दंतांक किरायतें कडोवन घेतात, पाडवालीचें पाळ झरोवन वा कडूलींबू वांटून घेतात.

ल्हान भुरग्याक नळ जाता तो जावंनये म्हण मायफळ झरोवन दितात.ताच्या कमराक (खास करून चल्या भुरग्याच्या) गजरो बांददतात.

दंतांनी पोट फुल्लें जाल्यार काळजीरें हून करून पोटाक बांददतात.

दाडी उसळल्यार हळद झरोवन अक्षद करून लायतात. मिरयां वांटूनय लायतात. दाडयेंपोंदा मसकाची साल मीठ घालून धरतात. तेंफळ, लंवग वा काजू सोऱ्याची गुड्डीय धरतात.

गोड्यामुताचे त्रास आसल्यार जांबळी सालीचें उदक पिवपाक दितात. मुतूंक त्रास जाता जाल्यार तवश्याच्यो बियो आनी हरयाळेचीं मुळां घालून उदक शिजोवन पिवपाक दितात. आडसरांचें उदक वा मुगांचें उदकय शितळसाणेक बरें.

कसलोय घावो वा कोंक जाल्यार धणकुटी मारनये म्हण दुदयाचो देंठ झरोवन पिवपाक दितात.

बाळंतबायलेक धणकुटी मारनये म्हण अनंता झाडाचे पाळ झरोवन पिवपाक दितात. फिग्दाचे त्रास आसल्यार पोपाय खाल्यार बरी. फिग्दाचे त्रास आशिल्ल्या ल्हान भुरग्याक गायेचें मूतय पिवपाक दितात.

कांट्रेल आयल्यार कांट्टेला झाडाच्यो बियो करपून तेल करून लायतात.

दुकीक रानदुकराची वोंस लायतात. भरण्याचे त्रास आशिल्ल्याक वागाचें रगत पिवपाक दितात. कोलेखाकेक कोल्यासोरो दितात. मांजरान घांस काडल्यार उंदराची शेस्टी झरोवन पिवपाक दितात, जाल्यार मांजराची शेश्टी उंदरान घांस काडल्यार झरोवन दितात.

दोळ्याक कसलेंय दुखापत जाल्यार थंड उदकांत कोथिंबिरी शिजोवन तो पालो धोवट कपड्यांत बांदतात आनी ती पुडी दोळ्यांचेर दवरतात. पाडवळीच्या पानांचो रस काडून दोळ्यांचेर दवरतात.

कान उसळल्यार तुळशीच्या पानांचो रोस काडून कानांत घालतात.

केंसपुळी वा आनी कसलेंय दुखाणें जाल्यार तें फुटाखालीर काडी घालून मळयतात वा सणीबियांचें पाप घालतात.

वागोणी, विंचू वा गांजीलगुमान घांस काडल्यार आमटाण वा शेण लायतात.

थंडेन ताळो कुसकुसून येत जाल्यार हळदीपिठो आनी साकर घालून कडकडीत दूद पिवपाक दितात. ताळो बसल्यार सुके फोव, भाजिल्ले चणे वा खडीसाकर खावपाक दितात.

नाक्शी जाल्यार म्हशीच्या नाकांत तें बोट घालपाक लायतात.

वाय–जळवाय जाल्यार कुपात्तराचो फांतर तापोवन ताचेर जिरें कुस्कयतात आनी तें उदक पिवपाक दितात.

उजो लागल्यार वा आंगार शिजिल्लें उदक पडल्यार घुन्याची निवळी वा केळी कांदयेचो रोस काडून भाजिल्ल्या जाग्यार घालतात.

सोरो पिवन कोनेंस मारल्यार त्या मनशाक सुक्या तणांत गुंटलावन दवरतात.

वयर सांगल्यांत त्या वखदांशिवाय कांय उपाय अशे:

गुरवार बायलेन आशा केल्यार दोंगर पुळी येता असो समज आसा. देखून दोंगर पुळी दितकच कातलेचो कुडको भाजून मळबाक ल्हेंवटान तो खातात. हें एक कुवाडें.

थंडी चडून येत तर आंगाक 'वेंतोज' काडटात. वेंतोज काडप म्हळ्यार एके तरेचो शेंक दिवप. ह्या खातीर कंवचेची खाशेलीं आयदनां आसतात. ह्या आयदनांनी कापसाची वात पेटोवन तें आयदन दुयेंतीच्या उक्त्या आंगार उमथीवप. कांय वेळ रावन मागीर तें काडप. ज्या जाग्यार वेंतोजाचें आयदन उमथिल्लें आसता तो जागो खूब वेळ वडो कसो फुलून रावता. अशेतरेन सगळ्या आंगार वेंतोच काडप. मिठाचेय वेंतोज काडटात.

वखदांनी कामीण निवळना जाल्यार लासून वा दागून कामीण निवळायतात. तरनो व्हीर वा तांब्याची सरी तांबडी जायसर तापोवन आंगाक आडवो दाग दितात. दाग दिल्ल्या जाग्यार खोबरेल तेलांत आनी हळदी पिठ्यांत बुडयिल्ली वात दवरून कांय वेळ घट्ट बांदून दवरतात. उपरांत जिन्यांचें कवळें पान लावन फेरीद कांय दीस व्हांवयतात. ह्या फेरदांतल्यान आंगांतली कामीण व्हावन वता अशें मानतात. कामीण चड करून पांयाचे पोवंटेकच लासतात.

कामीण लासपाचो आनी एक प्रकार म्हणजे, तांब्याचो पयसो बरो तापोवन ताचेर पांयाची खोट दवरप. अशे तरेन कामीण लासल्यार ती मुद्दाम व्हावयनात.

एकाद्रया खाणाच्या जिनसाची रूच वा वीट आयल्यार 'गांठ' जाता. म्हणजे बोमली कुशीन

सरता आनी तो मनीस खूब दुयेंत पडटा असो समज आसा. सदांच्या जाग्यार हुंकार दिवपी बोमली कुशीक वचून हुकहुकता वा कांय वेळार सामकी मोनी जाता अशें मानतात. रूच येवन गांठ कुशीक सरल्यार तो जिनस वा खाण रांदून खावपाक दिल्यार दुयेंत रोकडोच निवळटा, पूण वीट येवन गांठ कुशीक सरल्यार निवळपाक खूप त्रास पडटात. कांय वेळा सादी अत्तराची गुड्डी वा शब्दयाचो पालो किरमून बोंमलेंत घाल्यार गांठ जाग्यार येता, पूण खूबदां कडक रितीन गांठ बांदची पडटा. गांठ बांदपाखातीर कांय जाणांचो हातगूण बरो आसता. कांदो आनी कातलेचो कुडको भाजून वांट्टात, तांतूत थोडें जिरेंय घालतात. मागीर बोमलेंत थोडें दूद आनी अत्तर घालून ताचेर तो मिश्रणाचो गुळो दवरून घट्ट बांदतात. अशेतरेन गांठ तिनदां बांदतात मागीर दुयेंत निवळटा असो समज आसा.



मनशांच्या दुयेंसांसारके गोरवांच्या दुयेंसांचेरय कांय घरगुती उपाय करतात. तांतले कांय अशें :

पाशी जाल्यार कोथमिरेचें उदक पिवपाक दितात. नाकांत तुमो पिळटात.

बेबो नांवाचें दुयेंस जाल्यार तुम्या पानां किरमून तांतूत मीठ घालून तें गोरवांचे जिबेर घशटीतात.

लाग येत जाल्यार तंबाखू आनी रोजनीपालो वांटून लायतात. मिठाच्या उदकान फेरीद धुतात.

दोळे व्हावल्यार शिंगांचेर तेल घालतात.

दुखीक आशणा सालीच्या वा मयच्या सालीच्या उदकाचो शेक दितात. अळंबाची साल वा जिऱ्याचें कवळ बांदतात.

किंवण पडल्यार किडे झडपाखातीर खावडींत घोडकाची साल धोडावन घालतात.

दुदको (दूद चड जावन हागवण सुरू जावप) जाल्यार पाडकांक किरायतें वा काळजिऱ्यांचें उदक पिवयतात. कारातेचो वा काट्टिणीचोय पालो खावयतात.

एकाद्रया गोरवाच्या आंगाक खूब तेप दुख उरल्या जाल्यार ती निवळावपाखातीर ताच्या फाटीक 'बरगें' (दाग) दितात. कांय खास मनशांकच हे बरगे दिवप शक्य आसता.

बांगर बैलाक आळाबंदा हाडपाखातीर ताका 'मेळशितात' (चेंचायतात), म्हणजे ताच्यो आणकुल्यो चेंचायतात. हें कामय कांय खास मनशांकच जमता.

१

समज आनी अंधविस्वास

संवसारांतल्या खूबशा समजांचें आनी अंधविस्वासांचें स्वरूप एक प्रकारें जरी आसा कणकणीच न्हय तर घरां कणकणीय ताचें रूप बदलता.

आमोणें सारको एक ल्हान गांवच घेतलो जाल्यार ह्या गांवांत प्रत्येक धर्माचे, जाती–जमातीचे, घराण्याचे, घराचे, समान आनी वेग- वेगळे अशे जायते समज आनी अंधविस्वास पळोवंक मेळटात.

गांवच्या लोकजिविताकडेन एकरूप जाल्ल्या ह्या दोनय गजालींचें संकलन करप हें न सोंपपासारकें काम. आतामेरेन आमोणें गांवांसंबंदीत वेग -वेगळ्या विशयांचेर उल्लेखना प्रत्यक्ष वा अप्रत्यक्षपणान जायत्या समज आनी अंधविस्वासाची माहिती दिल्या तरी पूण ह्या गजालींचो उल्लेख केलोना तांतल्यो कांय गजाली अश्यो :

सकाळी उठ्ठना विधवा वा बोडके बायलेचेर नदर पडूंक जायना तशेंच उर्बोळ्ळ्या आनी खरड पडिल्ल्या मनशाचेर नदर पडल्यार दीस बरो वचना असो समज आसा.

बऱ्या कामाक भायर सरतना, मुखावयल्यान काळें माजर गेल्यार, रिकामी घागर दिसल्यार, वा लाकडांचो भोरो घेवन कोणय गेल्यार काम जायना अशे मानतात. कांय मनीस दिसल्यारय काम जायना असो समज आसा.

'मूळ' नक्षत्रार जल्मल्लें भुरगें आवय बापायक वायट अशें मानतात. जल्माच्या वेळार जर सामकेंच खर नक्षत्र सांपडत तर थारावीक काळमेरेन आवय–बापायची त्या भुरग्याचेर नदर पडूंक जायना असो समज आसा. कांय वेळा तर आवय–बापायन भुरग्याचें जल्मभर तोंड पळोवंचें नासता. देखून अशा भुरग्याक जल्मताच आवय–बापाय म्हऱ्यांतल्यान पयस दवरतात.

तीन चल्यांफाटल्यान चली जल्माक येत तर ती 'तिखळी' आसता. ती एक तर जाल्लें नाजाल्यार दिल्लें घर पाडा घालता आसो समज आसा. ''तिखळें घर निखळें !'' अशी एक म्हणच गांवांत आयकूंक मेळटा. तिखळ्या फाटोफाट परतय जर चली जायत तर तिका 'फुंकीं' म्हण्टात. तिवूय जाल्लें नाजाल्यार दिल्लें घर 'फुंकता' असो समज आसा.

तीन चलयांचेर चवथो चलो भुरगो जायत तर तो बऱ्या पांयगुणाचो थारता, तो आवय–बापायल्या घराची भरभराट करता अशें मानतात. अशे तरेचो चलो 'घराक कळस' अशें मानतात.

भुरग्याक दांत येवचेपयलीं ताका हारसो दाखयल्यार ताका दांत येवंक वेळ जाता तसोच तो भागता असोय समज असा. भुरग्याचें दांत झडटकच 'सात फांतर आनी शिंपयांचे सात कुडके'

घेवन तो दांत घरार वडोवंक जाय. अशें केलेंना आनी जर तो दांत कोणायच्याय पांयांपोंदा पडलो तर नवो दांत येना असो समजा आसा.

भुरग्याक पयलीं वयले दांत आयल्यार व्हडल्या मामाक तें वायट आसता असो समज आसा. अशें घडल्याार एक कुवाडें करतात, ते पयलीं मामान भाचराचें तोंड पळोवपाचें नासता. तें कुवाडें अशें : मामा भाचरामदीं एक वालो धरून कोणेंय उबें रावप. मागीर मामान एक नवें शस्त्र (आज अयदन घेतात) घेवन तें आपल्या कपलार मारून रगत काडप आनी त्या रगताचो भाचराक तिबो लावप. तें शस्त्र उपरांत मामान भाचराक भेट दिवपाचें आसता.

वर्स जावंचे पयलीं भुरग्याचो फोटो वा चित्र काडल्यार तें भागता असो समज आसा.

गुरवार बायलेचे व्होटयेंत पाल पडल्यार एक तर तिचो गर्भ घळघळटा वा तिगेर मेल्लें भुरगें जल्माक येता असो समज आसा. हरशीं लेंगीत कोणाय मनशाच्या आंगार पाल पडल्यार ताचें आयब मानतात. अशें घडल्यार मागीर न्हावन देवाक 'तुपाची वात' पेटोवपाची आसता आनी झाडार 'गोडाची पाल' (आकृती) करून दवरची पडटा.

एका फाटोफाट जांभयो आयल्यार कोणतरी याद काडटा अशें मानतात.

बरी खबर उलयता उलयता मदींच कोणीय शिंकलो जाल्यार तें काम जावंचेंना असो समज आसा. अशेतरेची खबर उलयतना सुण्यान मदींच कान फांफुडल्यारय तें काम जावंचेंना असो समज आसा. पांयांचे वा हातांचे तळवे एक सारके कुसकुसल्यार कोणतरी आपल्यो चाडयो करता अशें मानतात. बायलांचो दावे दोळो पिटपिटल्यार आनी दादल्यांचो उजवो दोळो पिटपिटल्यार फायदो जाता असो समज आसा.

गिराणा दिसा गुरवार बायलेन वेध सोंपसर न्हिदून रावूंक जाय. कांयच काम करूंक जायना. खावूं जेवूं जायना, हालूं-धोलूंक जायना. वेध चालू आसतना ती जें काम करता ताज्यो खुणो भुरग्याच्या आंगार उदेतात अशें मानतात. देखीक : तिणें कितेंय कापल्यार भुरग्याचो ओठ, कान, हात बी कापिल्लो जाता. काजळ-कूकूम लायत तर भुरग्याच्या आंगाक लाशें जाता.

गुरवार बायलेच्या सपनांत दुसरी गुरवार बायल वा तान्हें बाळक दिसल्यार वायट मानतात.

तीन, इकरा, बारा हे आकडे अशूभ मानतात. मंगळार आनी शनवार हे दोन दीस बऱ्या कामाखातीर वचपाक वा पयशिल्ल्या प्रवासाक वचपाक वायट अशें मानतात.

एकूच माप कितेंय रांदनात एकूच दोवलो जेवण पानार वाडनात भायर साकून केळीचें आख्खें पान घरांत हाडनात. पौष म्हयनो शूभ कार्याखातीर वायट अशें मानतात.

गुरवार बायल, बैल, रेडो, सोरोप, कासव, नुस्तें, हळशीक ह्या सारक्यो वस्ती सपनांत दिसल्यार वायट अशें मानतात. आपलें मरण दिसल्यार बरें पूण आपलें लग्न दिसूंक जायना.

नातूक वा भालू रडल्यार कितेंय तरी वायट घडपाचें आसा असो समज आसा.

परकी सुणें घराच्या एका दारांतल्यान भितर सरून दुसऱ्या दारांतल्यान भायर सरल्यार आयब मानतात. स्त्यावस्त्या घरार माड पडल्यार कितेंय तरी वायट घडपाचें आसा असो समज जाता. एकाद्रया घरार वीज पडल्यार त्या घरांतल्या मनशांनी सदांखातीर तें घर सोडपाचें आसता.

गाजरान तोंड धुल्यार सोयरी येता असो समज आसा. तशेंच तेलाच [illegible] सकयल पडल्यार वा रांदपाक तांदूळ काडटना हातांतल्यान शीत सकयल पडल्यार सोयरी [illegible] अशें मानतात.

रातचीं घरांत नाखटां काडल्यार भीक लागता असो समज आसा. रातचीं [illegible] भायर वडयनात. तिनिकात्रीची घरांत सान्न मारनात.

सुपांत कोयर भरनात. ल्हान भुरगे सुपांत बसल्यार मामाक वायट अशें मानतात.

झाडाक एकूच फळ आयल्यार तें फळ आपणें खावपाचें नासता, दुसऱ्याक [illegible]

भश्टेबायलेन गणपतीचें तोंड पळयल्यार दोळे फुटटात असो समज आसा

आपणें वापरिल्ली सान्न, सूप आनी दिवो दुसऱ्याक दिनात, तशेंच मीठ, [illegible] ह्यो वस्ती हातांत दिनात. दिल्यार ''धुमेकाल !'' अशें म्हुणूंक जाय. भायल्यान [illegible] हाडनात. कपडे आंगार शिंवनात तशेच लाशिल्ले कपडे घालनात. हारसो वा दिवो [illegible] कितेंय वायट घडपाचें लक्षण अशें मानतात.

तिनिकात्रीचें घरांत शेण काडनात. तशेंच गरम उदकान शेण कालयनात. [illegible] भायर सरून गेल्याबरोबर रोखडोच सान्न--शिताडो करनात.

हुमन्यार रावन माथ्याक तेल घालनात, तसोच कुकूमय लायनात. [illegible] उदक न्हावन निमाणें थंड उदक आंगार घालनात.

श्रावण म्हयन्यांत म्हसकाची भाजी खायनात.

कातयांत[1] घर शिंवनात तसोच जळव घरांत भरनात. तण बी गोठ्यांत भरनात. [illegible] उजो लागून जळून वता असो समज आसा. भात उकडल्यार 'रोयण' (वाळटी) येता अशेंय समज आसा.

टीप :

प्रकरण : ९

१ 'काती' म्हळ्यार कृतिका नक्षत्र. वर्साक दोनदां, म्हणजे कार्तिक आनी वैशाख म्हयन्यांत ह्या नक्षत्राचो काळ खर आसता अशें मानतात.

१०

गांवची हेर माहिती

आतामेरेन आमोणें गांवासंबंदान लोकवेदाच्या विंगड विंगड आंगांचो विचार जालो, तांतूत गांवचो भूगोल धरून, गांवचो राजकीय आनी सामाजिक इतीहास, देव–देंवचार–भूतावळ, परबो–उत्सव–व्रतां, संस्कार–परंपरा, जिबेवयलें साहित्य, लोककला, दुयेंसां आनी उपाय, समज आनी अंधविस्वास अशा गजालींचो अस्पाव जाला. पूण एकाद्र्या गांवचो अभ्यास करतना जर ह्या सगळ्या गजालींचो विचार केलो आनी थंयचे लोक रावतात कशे ? खातात कितें ? न्हेसतात कशे ? तांचो पारंपारीक वेवसाय –धंदो कितें ? हाचो जर विचार जालो ना तर तो अभ्यास पुराय जायना. लोकवेदाचो अभ्यास करतना, लोकजिणेचो अविभाज्य भाग आशिल्ल्या ह्या गजालींचो अभ्यास करप तितलेंच महत्वाचें थारता.

आमोणें गांवच्या लोकवेदाचो आभ्यास करतना ह्योवय गजाली लक्षांत घेतिल्ल्यो आसात.

अ. घरांची बांदावळ

सामक्या पूर्विल्ल्या काळार गांवांत 'कोलवाचीं' घरां आशिल्ल्याची माहिती मेळटा. ह्या घरांक बडयो आनी म्हेडी बांदून वण्टी तयार करताले आनी पाख्याखातीर करड वा तण वापरताले. अशेतरेच्या घराक आज 'खोप' म्हण्टात. कोलवाच्या घरांमदीं उपरांत थोडी सुधारणा जाली. करड–तणा बदला पाख्याक माडाचीं चुडटां वापरूंक लागले, मातयेचे थोर घालून वण्टी तयार करूंक लागले. अशेतरेच्यो खोपी आजय गांवांत आसात.

उपरांतची सुधारणा म्हणजे बारकेल्या नळ्यांच्या पाख्यांचीं घरां. सर्वसाधारणपणान ह्या घरांक दोनावयर कुडी नासताल्यो. आसलीच जाल्यार गुखार बसपा–उठपाखातीर इल्लिशी 'पडवी' आनी जळवभरपाखातीर वा हेर कसल्याय उपेगाखातीर फाटल्यान ल्हानशें 'बागेल'. जायत्या घरांक फाटलें दार नासतालें, तशेंच न्हावपा–धुवपाखातीर 'मोरी' क्वचीत दिसताली. घराकुशीक 'वंय' वा दुसरो कसलोय आडोस करून थंयच न्हावप–धुवप करपाची चाल आशिल्ली. ह्या घरांच्या वण्टी खातीर लागपी माती, घराकुशीचीच खणून काडटाले आशिल्ल्यान प्रत्येक घराकुशीक एक फोंडारो पळोवंक मेळटालो. ह्या फोंडाऱ्याचो मागीर फुटकें–तुटकें आनी चिखोल–कोयर वडोवपाखातीर वापर करताले. घराचे बुन्यादीखातीर मड्डेर मेळपी 'रोबल' सर्रास वापरताले. 'बारकेले नळे' घरांक वापरल्या उपरांतची सुधारणा म्हळयार 'सुलचे नळे' वापरपाची.

त्या वेळार गांवांत व्हडलीं घरां आशिल्ली तीं भटां–बामणांची. कुळकर्ण्याच्या मूळ घराचे

गांवांत गेल्यी अवशेष पळयल्यार तें गांवांतलें सगळ्यांत व्हडलें घर म्हूणपाचें दिसून येता. [illegible] घराच्यो वण्टी मातयेच्यो आनी पाखें बांदकल्या नळयांचें आशिल्लें. '[illegible]' आशिल्ल्या [illegible] तें पयलें आनी एकूच घर म्हणपाचें समजता. त्या जाग्यार गांवांत [illegible] 'कोट' आशिल्ल्याची माहिती सांगतात, त्या जाग्याचें निरिक्षण केल्यार, कुळकर्ण्याचें घर [illegible] व्हड आशिल्ल्याचें दिसता.

कडल्या घरांक देवाकूड, रांदपीकूड, कोठयेकूड, बाळंतीकूड, न्हिदपाकूड, तेलाकूड अशी कूडी आसताल्यो. शिवाय गुखार पडवी वा वासरी. कुळकर्ण्यांच्या घरांक 'आठ चौकी' आशिल्ल्याचें सांगतात.

प्रत्येक घरांत भात कांडपाखातीर चौकेर एक 'वान' आसतालें. कांय घरांनी 'मनकाळ्याची' आनी 'नित्याची' अश्यो दोन चुली आसताल्यो. हिंदूंच्या घरांनी चुली मातयेच्यो आसताल्यो तर वयर चूल घालपाची चाल सगळ्यांत पयली किरिस्तांवांच्या घरांनी दिसली. [illegible] रांदप 'तीन फातर' दवरून जरी केली तरी वेग वेगळ्या आकारांच्यो आनी कलाकुसरीन केल्ल्यो रांदणी पळोवंक मेळटाल्यो. सद्दां सकाळी उजो करचे पयली रांदप सारोवपाची चाल आशिल्ली.

सणा–परबेक घराच्यो वण्टी 'शेडीन' सारोवपाची चाल आशिल्ली. जमीन शेणान सारोवन निवळ करताले. हिंदूंच्या घरांनी सद्दां सकाळी सात्र मारल्या उपरांत 'शेण–शितादो' घालपाची पध्दत आशिल्ली. शेण सारयतकच वा शितादो घालतकच बायलांनी सुंदर 'रांगोळ्यो' घाल्ल्यो पळोवंक मेळटाल्यो.

कांय गजालींचो फरक आसलो तरी, गांवच्या हिंदू आनी किरिस्तांव दोगांच्याय घरांच्या बांदावळींत खुबच समानता दिसता.

हिंदूंच्या घरागुखार तुळशीवृंदावन आसताच. घरांतल्या सवायशिणींन सद्दां सकाळीं न्हावन–धुवन तुळशीक उदक घालपाची चाल आसा. सद्दां तिळसांजे तुळशी – मेडयेर दिवो पेटोवन दवरतात. भटां–बामणांगेर तुळशीक 'गळटी' लावपाची चाल आसा. (एका गाडग्यांत उदक घालून ताका एक बुराक करप आनी तो गाडगो तुळशी झाडाक हुमकळावप. मागीर गाडग्यांतलें थेंबो थेंबो उदक तुळशी मुळांत गळत रावता आनी झाडाक थंडाय मेळटा. गाडग्यांतलें उदक सोंपूंक दिनात. कमी जालें तशें आनीक घालतात. गळटी शिवरात्रेदिसा लायतात तीं अक्षय तृतीयेक काडटात.)

हालींच्या वीस–पंचवीस वर्सांत, गांवच्या घरांच्या बांदावळींत वेगान बदल जायत आसा. गोंयच्या हेर वाठारांनी जे तरेन सिमीट–कॉन्क्रीटाचो वापर करून आधुनिक पध्दतीन घरां बांदपाक सुरवात जाल्या, तेच तरेन आज गांवांत नवीं घरां उबीं रावील्लीं दिसतात. तरी पूण दुडिल्ल्यो खुणे पुराय विरळ जावंक नात.

जी परीस्थिती घरांची, तीच तुळशी वृंदावनांचीय. पूर्विल्लीं मातयेचीं वृंदावनां वचून तांचो जागो आज सिमीट–कॉन्क्रीटाच्या वृंदावनांनी घेवंक सुरवात केल्या.

जांगेर गोरवां आसतालीं, तांच्या घराकुशीक 'गोठो' आसतालोच. हो गोठो लाकडाच्यो म्हेडी पुरून करताले. पाख्याखातीर चुडटां, मलायो, मल्लां, करड–तण, हांचोय वापर करताले. आज

गांवांत सिमीट–चिऱ्यांचे आनी सुलच्या नळ्यांचे गोठे दिसपाक लागल्यांत.

गोठ्याकुशीक शेण उडोवंक 'गायर' आसताली.

पूर्विल्ल्या काळार गोरवां – पाडवो जालो तशीं गोरवांक गोठ्यांत बांदनासतना आप–आपल्या शेतांनी व्हरून बांदपाची चाल नाशिल्ली. आज एके बांदयेंत तर फाल्यां दुसरे बांदयेत अशें करून आख्ख्या शेतभर गोरवांक फिरयताले. त्या वेळार शेतांक कृतीम सारीं (Fertilizer) घालपाची चाल नाशिल्ली. गोरवांचें शेण, तांच्या पांयांपोंदची धुल्ली आनी गोबोर हाचेंच सारें म्हण वापर करताले. वयर सांगलां ते पध्दतीन गोरवांक शेतांत बांदत जाल्यार तांचें शेण–मूत पिड्ड्यार जायनासतना तांचो बरे तरेन वापर जातालो आनी घराकडल्यान शेतामेरेन शेण व्हरपाचे त्रासय वाचताले.

रातचीं वाग–वागटां येवन ताणीं गोरवांक खावंची न्हय म्हण, गोरवांचे धनी शेताकुशीक खोपी बांदून न्हिदताले. पावसाची पयली शेन आंगार पडली म्हण्टकच गोरवांक परत गोठ्यांत बांदूक सुरवात जाताली.

जे लोक कुकडां पोसताले तांच्या घराकुशीक 'घूड' आसतालो. दुकरां पोसप्यांच्याय घराकुशीक दुकरांखातीर 'घूड' आसतालो.

मडवळांच्या घराकुशीकय 'घूड' (खोर्न) आसतालो. हो घूड कुकडां–दुकराच्या घुडापरस वेगळो.

चिरमुल्यो करप्यांच्या घराकडेनय खोर्न असतालें. जे लोक फोवांचो धंदो करताले ताच्या घराकुशीक 'लाट' बसोवपाखातीर खाशेलें 'बागेल' आसतालें.

रेंदेराच्या घराकडेन 'भाटी' आसताली.

'संडास' वा 'कुमांव' बांदपाची चाल हालींच्या वीस – पंचवीस वर्सांत सुरू जाल्या. ते पयलीं गांवांत हांगा–थंय वाडिल्ल्या झिलीं–झोपांचो लोक आदार घेताले.

पयलीं प्रत्येक घराचे पडवेक मातयेचे 'सोपे' आसताले. ह्या सोप्यांचो उपेग बसपा–न्हिदपाखातीर जातालो. घराचे वण्टीक 'कुरकुटां' वा 'कत्रेलां' आसतालीं. तांचो देव वा दिवे दवरपाखातीर मुखेलपणान उपेग जातालो.

एकेकाळावयलीं गांवचीं देंवळां वा देवाचे मठ पळयल्यार तांच्या आनी घरांच्या बांदावळींत व्हडलोसो फरक दिसना. आज मात गांवांतलीं पूर्विल्लीं कांय देवळां मोडून, आधूनीक पध्दतीन तीं परतून बांदिल्लीं दिसतात.

गांवांत हिंदू–किरिस्तांव दोनय धर्माचे लोक घराची बुन्यांद मारतना पयलो घावो गांवकाराकडल्यान मारून घेतात. ते पयलीं हिंदूंगेर भट जमनीची पुजा करता जाल्यार किरिस्तांवांगेर पाद्री घर बांदपाचो जागो 'बेंजार' करता.

हिंदूंगेर बुन्यांद पुरयतना वास्तूपुरूशाची पुजा करून 'वास्तूधन' म्हण पांच धातू पुरतात.

गांवच्या हिंदू–किरिस्तांव दोनय धर्मांतल्या लोकांमदीं नव्या घरांत रावपाक वतना 'घरप्रवेश' (घरपुरुस) सुवाळो करपाची चाल आसा. हिंदूंगेर त्या दिसा 'वास्तुशांती' करतात.

घरप्रवेशादिसा नवे रांदनीत (चुल्हींत) उजो करून गोड [illegible], धूप, [illegible], मीठ ह्या सारक्यो संवसाराक जाय गरजेच्यो वस्तू त्या दिसा घरांत [illegible]

किरिस्तांवांगेर घरप्रवेशादिसा पाद्रीक आपोवन घर 'बेंजार' करतात.

हिंदूंगेर घरांसारकेच बांय, गोठो, तुळस ह्या सारक्यो बांदावळी [illegible] 'उजोवन' घेवपाची चाल आसा जाल्यार किरिस्तांवांगेर बांय, गोठो, खुरीस हीं [illegible] 'बेंजार' करून घेतात.

आ. हत्यारां – आवतां आनी आयदनां

पूर्विल्ल्या ग्रामवेवस्थेप्रमाण आमोणें गांवांतय, शेतकार, चामार, [illegible], पाडेकार, म्हालो, म्हार, कुमार, मडवळ, तारयो, खेत्री, वाणी, भट, गुरव, [illegible] वेवसाय करपी लोक आशिल्ले. हांतले कांय जाण आमोणें गांवांतच रावपी [illegible] चंद्रवाडींतल्या हेर गांवांनी रावन आमोणें गांवाकडेन संबंद दवरपी.

ह्या प्रत्येकाचीं आप–आपल्या वेवसायाप्रमाण खाशेलीं अशीं हत्यारां–आवतां [illegible]. हांतलीं चडशीं हत्यारां लोखण, लाकूड आनी दोरयो–वावळयो वापरून केल्लीं [illegible]. [illegible] हत्याराचो आकार–प्रकार आनी उपेग वेग–वेगळो आसतालो. आज चडशा जाणांनी नव्या तंत्राचीं आनी आधुनीक पध्दतीचीं हत्यारां–आवतां वापरूंक सुरवात केल्या. तरी पूण जायत्या [illegible] पूर्विल्लीं हत्यारां वा आवतां आजय पळोवंक मेळटात. तांतल्या कांय हत्यारां वा आवतांचीं [illegible] अशी :

शेतकाराचीं आवतां :

नांगोर (लोखणी आनी लाकडी), दांतो, दिवळो (दिफळो), गुंट्टो, खोरें, कुदळ, पाणकुदळ, कुराड, अळय, निवळो, पाळ, निरपोणें, पारय, पिकास, पावडो, विळो, कोंयती, कोयतो, [illegible], बेनुलें, मोडकूळ, दाबण, कातनें, किल्लाकातनें, रोमो.

चामाराचीं आवतां :

रांपी, हारी, दाबण, सुरी, तुतयो, वोडणी.

थवयाचीं आवातां :

हातोडी, फिरफिरी, कोतलें, सांगाडो, गीरमीट, निसाणो, दिसपीस, तासणी, कुट्टी (कुर्ची), शेणें, खरवत, कानस, तुतयो, खोलशी, आवतां, भेडी, पोटशी, फूट, गर्बीण, कंपास, कुरतोमांव, आसणी (आसणेबडी), रूम, बेटो, किसूळ, चिन्नें, दिर्बो (गिर्बो) तोंपण, गोयबा (गोयबाइन्नें), इन्नें.

मेस्ताचीं आवतां :

ऐरण, भातो, घण, कानस, साणस, तोर्ण, खरवत, तिर्वोट, तुतयो.

शेटीचीं आवतां :

ऐरण, कोळमी, निवळणी, पटकळणी, मार्क, गावो, मोरतेल, कंपास, जंत्र, तागडी, दिर्बो, गोटली, खरवत, सोवणो, कातर, गावीसोपोट, गावी, दोडकी, चिमटो, साणस, तुर्कैत, फुंकणी, तोर्ण, नळी, कानस, गांठ्यो, मूस, आगटें.

रेंदराचीं आवतां आनी आयदनां :

काती, दुदनें (दुदकें), दाबणें, लावणी, कळसो, गाडगो, मोगो, भाटी, घाणो, भाण.

पाडेकाराचीं आवतां

काती, कोयतो, आकडी, चाप, खाणू, भालो, सुळी.

म्हाल्याचीं आवतां :

कातर, वाखोर.

म्हाराचीं आवतां :

कोयती, कोयतो.

कुमाराचीं आवतां :

खोरें, पिकास, पारय, चाक वा मोट.

मडवळाचीं आवतां वा आयदनां :

फेर्र, कर्वे, तस्त, भाण.

तारयाचीं आवतां :

पोनेळ, व्हडें, तोळ, उलांडी ह्या सारक्या वस्तीक तारयांचीं आवतां म्हूण नांव दिलीं ताचे उपजीवीकेचीं साधनां जावन आसात हांतूत दुबाव ना.

गवंड्याचीं आवतां :

पारंपारिक संबंद आशिल्ले गवंडेपणाचो वेवसाय करपी लोक आमोणें गांवांत नात. सगळे गांवचे लोक आप–आपल्या घरांच्यो वण्टी मातयेचे 'थोर' घालून स्वनाच तयार करताले. मातयेच्या थोरांचो जागो उपरांत 'हरव्या वीटांनी' घेतलो. हे वीट गांवचे लोक स्वनाच तयार करताले. 'भाजिल्ले वीट' आनी 'चीरें' वापरपाची चाल गांवांत हालींच रिगल्या. फाटल्या चवीस वर्सांसाकून भाजिल्ले वीट तयार करपाची एक भट्टी गांवांत चालू जाल्ली आसा.

सिमीट–चिऱ्यांचीं घरां बांदपाची चाल गांवांत पावतसाकून म्हणजे फाटल्या पन्नास–साठ वर्सांसाकून पेडणें तालूक्यांतले 'गवंडेपण' करपी कांय लोक आमोणें गांवांकडेन संबंद जोडून आसात. तांचीं कांय आवतां अशीं :

पिकांदर, चिपणें, (चेंपणी), थापी, लंब, घण, काम, इस्काद, सूत, खोरें, कटावणी, पिकास, पारय, कायल.

नुस्तेकाराचीं आवतां :

आमोणें गांवांत वेवसाय म्हण नुस्तें धरपी लोक नात. पूण हौस म्हण न्हंय–व्हाळांचेर आनी पावसाच्या दिसांनी शेतांत चडटलें नुस्तें धरपी लोक आजय आसात. शेजारच्या शेळवण गांवांत मात वेवसाय म्हण नुस्तें धरपी लोक आशिल्ले.

कोबलें, कांटाळी, कूळ, पागेर, कडसरी, शेणी, सुरी, शितारी, तांस, झारी ह्या सारक्या वस्तींचो नुस्तें धरपाखातीर वा मारपाखातीर लोक उपेग करताले.

वाणयाचीं मापां – वजनां :

वाणयाकडेन तरेकवार मापां–वजनां आसतालीं. धान्यां–कडधान्यांसारके अखंड पदार्थ मेजपाचीं मापां आनी दूद–तेलासारके पातळ पदार्थ मेजपाचीं मापां हांतूमदीं फरक आसतालो.

गोंयांत मेळपी मापांचें निरिक्षण केल्यार दक्षिण गोंय आनी उत्तर गोंय, ह्या दोनय भागांतल्या मापांमदीं फरक जाणवता.

दक्षिण गोंयांत फुडलेतरेन अखंड पदार्थ मेजताले :

(चडट्या प्रमाणांत)
पाव–शेर
अर्द–शेर
शेर
मण
खाणी

उत्तर गोंयांत अखंड पदार्थ अशे मेजताले:

(चडट्या प्रमाणांत)
सोळावें
गिन्नाटें
अर्द अन्नाटें
अन्नाटे
आटोव
पड
पायली
कुडव
मुडी
खाणी
कुंभ

वयर सांगिल्ल्याप्रमाण जरी दक्षिण आनी उत्तर गोंयांत वापरपाचीं मापां वेग–वेगळीं आसलीं तरी आज मात गांवांत दोनय तरेची मापां घोळणुकेंत दिसतात.

पातळ पदार्थ मेजपाचीं मापां अशी :

(चडट्या प्रमाणांत)
अर्द नवटांग
नवटांग

पावशेर
अर्दशेर
शेर
कानड
कालांव

एका तेंपार गांवांत घोळणुकेंत आशिल्लीं 'वजनां' अशीं :

अर्दवॉस
वॉस
कार्त
चार वॉसां
रात
मण

वजनांनी मापपाखातीर 'तागडी' लागताली.

खेत्र्याचीं हत्यारां :

तीर–कामटो वा धनुष्य–बाण, गदा, अर्द–चंद्र, परशु (फरशी), निमचो, भालो, [illegible], धाल, तोमरो, त्रिशूळ, कट्यार, वाग–नख, खंजीर, मुगदळ, अंकूश, पटो, खेटक, चक्र, [illegible], बंदूक (आर्विल्ल्या आळार).

भट–गुरवाचीं आयदनां :

पडगो, तांबयो, पळी, घांट आनी पंचपात्र हीं आयदनां म्हणजे भट–गुरवाच्या उपजिवीकेचीं साधनां.

वाजंत्र्याचीं वाजपां :

वाजंत्र्याचीं वाजपां हीं ताचे उपजिवीकेचीं साधनां. कांय वाजपांचीं नांवां अशीं :

धोल, तासो, धोलकें, शामेळ, घुमट, म्हादळें, पखवाज, तबलें, कांसाळें, झांज, डमरू, शेनाय, सूर्त, शींग, कोरनो, जगांट, एकतारी, तंबारो, शंख, पावो, पितळी, चौगुडो

दर्ज्याचीं आवतां :

आमोणें गांवांत फाटल्या चाळीस वर्सां साकून दर्जीपणाचो धंदो करून आपलो संवसार चलोवपी जायतीं कुटुंबां आसात. पूर्विल्या काळार लोक आपले कपडे घरच्या घराच शिंवताले. वेवसाय म्हण दर्जीपणाक हालींच म्हत्व प्राप्त जालां.

कातर, सूय, दिदाल, माकन (हातामाकन वा पांयमाकन), फूट वा पट्टी, जोक आनी खडू ह्या सारक्यो वस्ती दर्जीपणाक लागतात.



घरांत, शेतां–भातांत आनी हेर कामाखातीर वापरपाचीं आयदनां आनी हेर वस्ती :

तांब्या–पितुळच्या आयदनांची चाल येवचेपयलीं लोक रांदपा–जेवपाखातीर मातयेच्या – आयदनांचो सर्रास उपेग करताले.

कुयणें, मडकी, गाडगो, थाली, गाडगूल. कैल, तवो, सानन–कोंपरो (सानन – धांकणो), बुयांव, आचांव, हांडो, हांडी, कळसो, भाण, मायटी, गुलगुलेत, धुपाड्डें, मिलेर, पणट्यो, कुंड्ड्यो अशेतरेच्या मातयेच्या आयदनांचे तरेकवार प्रकार पळोवंक मेळटाले.

ह्याच काळार लोक वाडपाखातीर कट्टेचे दोवले वापरताले. उदक पिवपाखातीर कट्ट्यो–दोणे वापरताले. जेवपाखातीर पत्रावळी–मांडे आनी खोल्यांचो वापर करताले. आजय गांवांत एकाद्र्या गरीब घरांत कट्टेचे दोवले आनी मातयेचीं आयदनां वापरतना दिसतात. देव–धर्माच्या कार्याक पत्रावळी आनी केळीच्या खोल्यांचेर जेवतना दिसतात.

गांवांक लागपी 'कुमारवत' पयलीं शिरवय गांवचें हिंदू कुमाराचें घराणें हाडून दितालें. चवथ–शिगम्यासारकिल्या परबेक दोन–चार दीस आसा म्हळ्यार कुमारवताचें वजें माथ्यार घेवन तांची गांवांत भोंवडी आसताली.

कुमारवता बरोबर 'म्हारवत' य लोक वापरताले. शेता–भाताच्या वावराक आजय लोक म्हारवत वापरतना दिसतात.

म्हारवताचे कांय प्रकार अशे :

घरांत वापरपाचें म्हारवत :

सूप, सुपली , पाटलो, वल्ली, वल्लो, सांगशी, शामेळ, पांज, कडो, परडी, पाळणें, चाळण, पेट, पेटारो, कुरपांडो, कंड्डो, कंड्डी, खाणवें, आराणो, खिळखिळो (खेळणी), सोण्णेर.

शेतां–भातांत वापरपाचें म्हागवत :

हातरी, हातर, पाटी, दुदमुरा, खोटलो, (शेंपूल), नतें (कुर्डी, [illegible]), [illegible], विर्ले, कंद्दूल.

घरांत वापरांत आशिल्ल्या लोखणा–लाकडाच्या आयदनांचे आनी वस्तींचे कांय प्रकार अशे :

फर्नीचर :

पाट, चौरंग, बांक, बाकीन, मेज, कदेल, दिवाण, [illegible], [illegible], [illegible], [illegible], कांत, कांतेर, खुंटयाळें, घडवंची, पेट, पेटारो, आरमार, [illegible], खाट, [illegible], [illegible], [illegible], [illegible], डोली, माचूल, कदेलीन, पेटूल, चवाय, आमन.

आयदनां आनी हेर वस्ती :

दाय, दोवलो, दावल, पळी, शेवगो, चकलदांतो, रवी, [illegible], [illegible], [illegible], [illegible], वाळणी, आदोळी, गाण, पेटणें, लाट, खोड, गुमळ, [illegible], [illegible], [illegible], [illegible], लाटफळें–तोणी, रांतेर, गुडफळें, तांबूलफळे, खेळणीं, चिर्लीम बी.

गदल्या काळांत गोंयच्या हेर वाठारांत जशी तांबे–पितूळ, जर्मन [illegible], [illegible], [illegible], [illegible] चिनी मातयेचीं आयदनां वापरपाची चाल आयली तशी ती [illegible] [illegible] [illegible]. [illegible] आयदनांचे कांय प्रकार अशे :

तोप, हांडो, कळसो, घागर, भाण, चेंबू, लोटो, तांबयो, [illegible], [illegible], [illegible], पोळ्यांकायल, येलाप्पांकायल, वड्यांकायल, वाटली, लोखुणें, कांसो, [illegible], [illegible], [illegible], [illegible], कायतालो, कांसूल, सानन–कोंपरो, ताट, परात, चिन्ने, सांगाड्डे, कदे, [illegible], [illegible], [illegible], तपलें, लोटी, ताटली, शिबें, गंगळी, थाळो, डबो, जाम, पेलो, वाटो, वाटी, [illegible], [illegible], [illegible], शेवगो, उरउळी, खलबतो, करंड, पिकदाणी, अत्तरदाणी, गुलाबदाणी, पानपुडें, [illegible], चुनाळ, चौफुलो, बुशेद, पेटूल, चाळण, गिंडी, तस्त, किल्लकातनें, तबक, [illegible], [illegible], नाक्शिणें, कडये तांबयो, कडये डबो, कमंडूल, किटली, चमचो (कुलेर), खलबत्तो.

देवाकुडींत वापरपाची कांय खास आयदनां अशीं :

तांबयो, पडगो, पंचपात्र, पळी, घांट, निरांजन, पणटी, धुपाड्डें, चिमळ, दिवली, [illegible], लामणदिवो, नंदादीप, पंचारत, एकारत, सरमाळ, श्रीमुद्रा (शंख, चक्र, गदा, पद्म ह्या आकाराच्यो).

पूर्विल्ल्या काळार कांसार हीं आयदनां माथें वजनान गांवांत घेवन येतालो.

घरांत वापरपाच्यो कांय फांतराच्यो वस्ती अश्यो :

फातर, रगडो–वान, दातें, खलबतो, कोठाळें, साण.

ह्यो वस्ती दुसऱ्या गांवच्या पाशाणाकारांकडल्यान लोक हाडटाले. पूण सागक्या सुरवातीच्या काळार जेन्ना ह्यो वस्ती गांवांत मेळप शक्य नासतालें तेन्ना लोक न्हंयेंतल्यान वा मड्डेवयल्यान जाय तसल्या आकाराचो फांतर सोदून हाडून तांचो उपेग करताले.



सामक्या आदिमकाळार जेन्ना पेत्रेल आनी हेर तेलां गांवांत मेळप शक्य नाशिल्लें तेन्ना लोक सुर्या उजवाड आसतनाच आपलीं सगळीं कामां करून सोंपयतल्याचें सांगतात. ह्याच काळार 'चुडीचो' सर्रास उपेग करताले.

उपरांत 'खश्टेल–तिळेल–खोबरेल' गांवांत उपलब्ध जालें आनी पणट्यो–दिवल्यो पेटूंक लागल्यो. हळू–हळू मोट्या वाड्यांनी 'गोलोफ' पेटले. पेत्रेल गांवांत पावताच चिमणी, कंदील आनी पॅट्रोमॅक्स सारके दिवे दिसूंक लागले.



चिनी–मातयेंच्या आयदनांचे गांवांत दिसपी मुखेल प्रकार म्हळ्यार :

चिक्र–बशी, बरणी, बुयांव, आचांव, कांसो, पिरी, किटली, फुलदाणी.



लाकूड आनी तरेकवार धातूपासून तयार केल्ल्या संवसारपयोगी अशा, वयर सांगलांत त्या वस्तीशिवाय, तण, झाडा-पेडांच्यो साली आनी बडयो वापरून केल्ल्यो जायत्यो वस्ती गांवांत लोकांच्या वापरांत दिसताल्यो. तांतल्यो कांय अश्यो :

पिसोणी, सान्न, विरोणी, मांद्री, शिकें, कोबलें, निवणें (लिवणें), चिकनळी, गोफीण, पांजरो, पांकाटी, दोर, शेल, राजू, गचकीं, दावें, जाबळो, दांतोणी, लिकोणी, कंड्डो, घुरम, सांतली.

आयच्या नव्या युगाचें वारें, आमोणें गांवांतय पावलां. नव्या युगांतल्या स्टील, प्लास्टीक आनी कंवचेच्या आयदनांनी पूर्विल्ल्या आयदनांचो जागो घेवपाक सुरवात केल्या. घरांतलीं जुनी–पोरनी तांब्या–पितुळचीं आयदनां विकून नवे मोदीचीं स्टील–प्लास्टीकचीं आयदनां घेवपाचें 'फॅड' आयचे नवे पिळगेमदीं रिगलां.



वयर सांगल्यांत त्या आयदनांमध्ये काय प्रकार [illegible] हिंदू-किरिस्तांव दोनय समाजांत आशिल्ले, मात कांय आयदनांक वेगळ्या नांवान [illegible]. देखीक : हिंदू लोक ज्या आयदनाक 'सूप' म्हणटात ताका किरिस्तांव समाजांत '[illegible]' अशें म्हणटात.

हिंदू देवळांत दिसपी वा संबंदीत वस्ती म्हळ्यार : [illegible], [illegible], [illegible], [illegible], गोरशेल, घुडी, सत्री, फुगो, भालदारकाठी, कळस, दिवटी, [illegible], [illegible], [illegible], [illegible] ह्या सारक्यो वस्ती जरी किरिस्तांवांच्या इगर्जेनी आनी कोपेलांनी दिसनात [illegible], [illegible], इर्गीताल, आल्तार, चॅरोल ही थंय दिसतात.

इ. जेवण-खाण

आमोणें गांवच्या लोकांचें मुखेल धान्य 'भात'. [illegible] तांदळांपासूनच तरेकवार पदार्थ तयार करून लोक खाताले. भाताबरोबर [illegible] ([illegible]), [illegible], कुळीद, वरी, कांगू, हिवूय धान्यां रोवन लोक खाताले. त्या वेळार [illegible] जाताली. आज साळावले धरणाचें उदक गांवांत पाविल्ल्यान [illegible].

सर्वसादारणपणान गांवच्या लोकांचो आहार 'शीत-कालवण'. [illegible] 'कडी' जाल्यार शिवराक कालवण्यांक 'रोस' म्हणटाले. [illegible] धवाड्यांची चाल हालींच गांवांत भितर सल्या.

गांवचे लोक सर्वसादारणपणान नित्याक 'उकडें शीत' जेवताले जाल्यार [illegible] 'सुरय शीत'. भट समाजात मात उकडें शीत निर्शीध्द मानताले.

उकडे जावं सुरय दोनय तरेचे तांदूळ लोक पयलीं घरचे घराच करताले. [illegible], [illegible], करंगूट, केनाळ, तांबडीपाटी, साळ (जिरेसाळ आनी कोयंबीर साळ) अशेतरेच्यो भाताच्यो कांय जाती पूर्विल्ल्या काळार गांवांत आशिल्ल्यो. आज जया, अन्नपुर्णा, ज्योती, रत्नागिरी ह्या सारक्यो भाताच्यो संकरीत जातीय गांवांत दिसूंक लागल्यात.

उकड्या शितांत मीठ घालपाची चाल आशिल्ली.

शीत–कालवण्याबरोबर 'तोंडाक' म्हण, तायखिळ्याची भाजी, म्हसगाची भाजी, [illegible] भाजी, आळूं, तेरें, गोंयची भाजी, कुड्डुकेची भाजी, तांबडी भाजी, वाळची भाजी, [illegible] भाजी, शेपेची भाजी, धवी भाजी, चवळेची भाजी, मुळ्याची भाजी, कांद्याची पात ह्या सारक्यो भाजयो रांदून खाताले. हांतल्यो कांय भाजयो पावसाच्या दिसांनी आपल्या आपूण किल्लताल्यो तर कांय भाजयो मुद्दाम रोयच्यो पडटाल्यो. ह्या भाजयां शिवाय आंकूर, अळमी, किल्ल हांचेय बी तरेकवार प्रकार लोक रांदून खाताले. म्हसगाच्यो सांगो आनी फुलां तशीच केळींच्या बोंड्येची भाजी करूनय खाताले.

पावसाच्या दिसांनी गांवचे लोक पोरसूं करताले. घरदूदी, कोंकणदूदी, बोबरां, घोसाळीं, माट्टू घोसाळीं, काळंगां, तवशीं, मोगीं, चिबडां, भेंडे, वीरवीर (वाल), वायगीं, तेडली, पडोळीं, काराथीं, कुवाळे, कोयतेवाल ह्या सारकी शाक–भाजी ह्या पोरसांनी रोवन तांचो तरेकवार पद्धतीन जेवणांत उपेग करताले.

आंबाडे, आंवाळे,चिंचेबोटां, अटंबां, बिमलां, करमलां, भिरंडां ह्या सारक्या फळांचो जेवणाक रूच हाडपाखातीर उपेग करताले. आंबे, पणस, काजू, पेरां, आंतेरां, सिताफळां, केळीं, अणसां, पोपायो, नीरपणस, चिकू, तोरांजां, मावळींगां, लींबू, नाल्ल ह्या सारकी फळां (फळझाडां) घरांभोंवतणीं रोवन, एक तर तीं पिकोवन खाताले वा तन्नीं आसतना तांचो जेवणांत उपेग करताले.

जगमां, जांभळां, चारां, चुन्नां, काण्णां, कणेरां, भेंळसां, बोरां असलीं रानफळांय लोक खाताले. कारांदे, चिरके–कोनां, सुरण, झाडेकणंगां, कांटेकणंगां, सादीं कणंगां, माडयो असलीं कंदमूळांय ते पावसाच्या दिसांनी रोवन खाताले.

मिरसांग, हळद, कांदो, लसूण, कोंथबीर एकातेंपार गांवचे लोक स्वता रोयताले आनी तांचो जेवणांत उपेग करताले. 'मीठ–गोड' मात ते दुसऱ्या गांवच्यान हाडटाले. साकर तशेंच वेळची–लवंगांसारको मसालो हालींच्या वर्सांनी गांवांत पावला. ते पयली लोक गोडाची 'च्या' पिताले. हळद आनी मिरसांगेचोच मसालो घालून जेवण रांदताले. तिखश्या जेवणांत वासाखातीर करीबेलाचीं पानां वा तेंपळां वापरताले. गोडशांत वासाखातीर हळदीचीं पानां वापरताले.

गंवासारकें अन्नधान्य आनी मूग, चणे, चवळयो, तोर, हळसांदे, मसूर, आवरे ह्या सारकीं कड्डणां आनी मिरयां, जायफळां, पत्री, तिखी, दगडफूल, खसखस, लवंगां, सासवां, जिरें, बडीशेप, तूपमिरयां, तिळयो, वोंवो, वेळची, मेथयो, सणबियां, हिंग, ह्या सारके जिनस हालींच्या काळांत बाजारांत उपलब्ध जाले.

आजय दर आयताराक कुसमणा (केपें) भरपी 'बाजार' आनी दर वर्सा पाड्ड्या गांवांत भरपी 'पुरूमेंताचे फेस्त', गांवच्या लोकांचे पुरूमेंत करपाचे पूर्विल्ले चालीविशीं गवाय दितात.

पिट्टोळ, काड्डूकां, सांगटां, तांबशे, शेंवटे, कुल्यो, कोंगे, खुबे, पटींग, सुंगटां, खरवे, काळुंदरां, वागोळीं, शिंवस ह्या सारके न्हंय–व्हाळांत मेळपी आनी पावसाच्या दिसांनी शेतांत चडपी नुस्त्याचेरूच लोकांक अवलंबून रावचें पडटालें. देखून मेळना त्या दिसांनी खावपाखातीर लोक हें सावें नुस्तें सुकोवन दवरताले. आज मात बांगडे, तारले, पेडवे, विसवण, कल्ल्यो, रावस, मुड्डश्यो, शेतकां, तोळयो, तोणक्यो, मोरयो, माणक्यो, पापलेटी, शेलायो, खांपयो, वेल्ल्यो, धोडयारे, लेपो, राणे, बाळे, बोमील, तिसऱ्यो, कोंडोयो, शिनाण्यो ह्या सारकें खाऱ्या उदकांत गेळपी नुस्तें गांवच्या लोकांक जाय तितकें मेळटा. पूर्विल्ल्या काळार गांवच्या लोकांक फकत 'बाजार भरता' त्याच दिसा म्हणजे आयताराच्याच दिसा नुस्तें मेळटालें. आज केप्यां बाजारांत दर दिसा नुस्तें विकूंक येता आशिल्ल्यान लोकांक नुस्त्याची वाण ना. तरी लेगीत आजय एकाद्रो गांवकार पावसाचें उदक शेतांत चडटकच नुस्तें धरपाखातीर वतना दिश्टी पडटा. न्हंय–व्हाळांचेर शितारी घेवन गोरोवंक बसता वा बेकायदेशीर आसलें तरीय न्हंयेंत जेलेटीन वडोवन नुस्तें मारतना दिसता. शेतांत नडटा नडटा कोंगे

पुंजायता वा व्हंगेंत व्हाना व्हाना खुब घोडून काडटा

'गोरोवणी' आनी 'दिपावणी' हे पुर्विल्ल्या काळांतले नुस्तें धरपाचे दोन मुखेल प्रकार. हाचे शिवाय 'खाणव' बांदून वा 'डुबय' करून लोक नुस्तें धरताले. '[illegible]' बांदून नुस्तें धरपाचें चालय एकातेंपार गांवांत आशिल्ली.

हुगण, सुकें, दबदबीत, तळून, भाजून अशे नाना तऱ्हांनी नुस्त्याचे कांय प्रकार करून खाताले.

गांवचे भट समाजांतले लोक मात पुराय शिवराक जेवण जेवताले. कडधान्यां कडडण्यां आनी शाक भाजयेचोच ते जेवणांत उपेग करताले. लसूण-कांदो खावप एकातेंपार ते निशिध्द मानताले. आज जरी ह्यो वस्ती तांच्या घरांनी पावल्यांत आसल्यो तरीय देव-धर्माच्या कार्याक त्यो वापरनात. हेर घरांनीय (हिंदू) देव धर्माच्या कार्यांत ह्यो वस्ती निशिध्द मानतात. [illegible], वांगीं, बटाट, चवळी ह्यो वस्तीय देव कार्याक जेवणांत वापरनात.

'मांस' वा 'शागोती' खावप एकातेंपार भट समाजांतले लोक निशिध्द मानताले. गांवचे हेर लोक जरी मांस खाताले तरी कोणें खंयच्या जनावराचें मांस खावचें हाचेर पुर्विल्ल्या काळार एक बंदन आसतालें. हिंदू गावडी आनी नायक जातीचे लोक पयलीं कुकड, घरदुकर आनी गायचें मांस खायनाशिल्ले. कोंबयेचें तातीं खावपय ते निशिध्द मानताले. रानदुकर, [illegible], [illegible], [illegible], [illegible], साप(गार), रानमांजर, चानी, कोगूळ, कवडो, बकें, लायो, रानकोंबी ह्या सारक्या सावदां-सुकण्यांची शागोती ते खाताले. गांवचे हेर लोक घरदुकर, गाय, आनी कोळहुंदीर सोडून खावपासारकें हेर सगळें मांस खाताले.

किरिस्तांव समाजांतय गावडी जमातीचे लोक कुकड, गाय, आनी घरदुकराचें मांस निशिध्द मानताले पुण कोळहुंदीर, कांसव, वोडलां, काटांदोर, हांचें मांस ते खाताले. किरिस्तांव समाजांतले हेर जातीचे लोक हें मांस निशिध्द मानताले पूण गाय, घरदुकर , कुकड हांच्या मांसा बगडा ते रानसावदांचें आनी सुकण्यांचेंय मांस खाताले. वयर सांगलां तें सुकण्यांचें वा सावदांचें मांस तिखट भाजून वा मसालो वापरून सुकी वा पातळ शागोती रांदून खाताले.

शिवराक जेवणाचे कांय प्रकार अशे :

मुगांगांठी,खतखतें, रोस, कांद्यांचो वा तेंफळांचो कुंवळ, शाक, भाजी, शिशेंल, रायतें , किसमूर, उसळी, चटणी, दांगर, घरय, पापड (पणसाचे पापड, हुडदाचे पापड बी), सांडगे, शेवयो (गंवांच्यो आनी तांदळांच्यो), वडयो, वडे (गोड वा तिखट), लोणचें (आंब्यांचें, लिंबांचें, कारण्यांचें, आवाळयांचें, आंबाड्यांचें, करमलांचें, बिमलांचें बी), कडी, भर्त, तळिल्ल्यो फोडी, करम, सांसव, सान्नां, व्हीट, पातोळ्यो, तरेकवार फोव, पोळे, मणगणें, पुरणपोळयो, खीर, येलापे, सोजी, आटवल, पायस, गुळणी, धोणस, साकरभात, खिचडी, सांजो, शिरो, शिकरण, पंचामृत (केळीं घालून तयार केल्लो एक पदार्थ), आमरस आनी हेर.

खाणां

लाडू, कापां, हालवे, शंकरपाळ्यो, चकऱ्यो, जिलब्यो, नेवऱ्यो, म्हानां, गोदक, शेव–चिवडो अशीं तरेकवार सुकीं खाणां करताले.

नेवऱ्यांचे कांय प्रकार अशे आसात :

१) किशीच्यो नेवऱ्यो
२) गंवां पिठ्याच्यो नेवऱ्यो
३) मुगांपिठ्याच्यो नेवऱ्यो
४) गोडाच्यो नेवऱ्यो
५) तिखश्यो नेवऱ्यो
६) चुन्नाच्यो नेदऱ्यो
७) पुरणाच्यो नेवऱ्यो
८) कणंगांच्यो नेवऱ्यो
९) खव्याच्यो नेवऱ्यो

तरेकवार 'साठो' घालून नेवऱ्यांचे जशे वेग–वेगळे प्रकार करताले तेच पध्दतीन मोदकय तयार करताले.

लाडवांचे कांय प्रकार :

१) साकर – लाडू
२) मुगां–लाडू
३) तांदळां–लाडू
४) चुरमी–लाडू
५) बियां–लाडू
६) शेवा–लाडू (काडयांचे वा कळयांचे)
७) बुंदी–लाडू
८) मिरयां–लाडू
९) रव्या–लाडू
१०) मोतीचूर–लाडू
११) ल्हायां–लाडू
१२) चिरमुल्यां–लाडू
१३) बेसन–लाडू
१४) तिळां–लाडू
१५) फोवां–लाडू
१६) खाजी–लाडू

१७) पिठ्या–लाडू

वयर सांगल्या ते लाडवांचे प्रकार गोड [illegible] करताले.

कापांचे कांय प्रकार अशे :

१) साकरे–कापां
२) गोडा–कापां (घटखटीं)
३) चण्यादाळी–कापां
४) रव्या–कापां
५) केळयां–कापां
६) दुदया–कापां
७) कुवाळ्या–कापां
८) बटाटां–कापां
९) आंब्यां–कापां
१०) कणगां–कापां
११) नीरपणसा–कापां
१२) पोपाये–कापां
१३) सोये–कापां
१४) चणे–भिकणांचीं कापां

हालव्याचे कांय प्रकार :

१) मैद्या–हालवो
२) केळयां–हालवो
३) आंब्या–हालवो
४) पेरां–हालवो
५) बटाटां–हालवो
६) कोंकणदुदया–हालवो
७) कुवाळ्या–हालवो
८) घर दुदया–हालवो
९) पणसा–हालवो
१०) नीरपणसा–हालवो
११) कणगां–हालवो
१२) पोपाये–हालवो

वड्यांचे कांय प्रकार :

१) सादे–वडे (तांदळाचे वा गंवांचे)
२) गोड–वडे
३) तिखशे–वडे
४) मोग्या–वडे

चकऱ्यांचे कांय प्रकार :

१) तांदळा – चकऱ्यो
२) चण्यादाळी – चकऱ्यो

फोवांचे प्रकार :

१) कालयल्ले फोव
२) रोसांतले फोव
३) दुदांतले फोव
४) फोडणी–फोव
५) ताकांतले फोव
६) कडयेंतले फोव
७) साकरेचे फोव (फुलयल्ले)
८) तिखशे–फोव
९) बटाट–फोव
१०) धंयांतले फोव
११) चिवडो

खिरीचे प्रकार :

१) सादी–खीर (तांदळांच्या वा गंवांच्या पिठाची)
२) रव्या–खीर
३) कणगां–खीर
४) कोंकणदुदया–खीर
५) चण्यादाळी–खीर (मणगणें)
६) शेवयां–खीर
७) नीरपणसा–खीर

चिवड्याचे प्रकार :

१) फोवां–चिवडो (चिवडो)

२) मिरमुल्यां–चिवडो
३) ल्हायां–चिवडो
४) बटाटां–चिवडो
५) शाबुदाण्यां–चिवडो

म्हानांचे प्रकार :

१) कणगां – म्हानां
२) बटाटां – म्हानां
३) केळ्यां –म्हानां
४) पणसां – म्हानां

म्हानां गोड वा तिखशीं करतात.

वयर वर्णन केल्यात ते तरेचे जेवणां–खाणांचे प्रकार [illegible] भटां–बांमणांच्या घरांनी जाली. उपरांत सामाजिक आनी आर्थिक [illegible] घरांनीय ते दिसूंक लागले.

सोलां, मीठ, मिरसांगो, आनी खारें ह्या सारक्या वस्तींचो लोक [illegible] 'पुरूमेंत' करताले. लोणचीं, पापड, वडयो, साणगे, खळ, साटां, शेवयो ह्या सारके जिनस पावसांत खावपाखातीर सांबाळून दवरताले.

च्या–कॉफीचें वारें गांवांत पावंचे पयलीं सरसकट सगळे लोक सकाळींफुडें 'पेज' वा 'आंबील' जेवताले. पेजेबरोबर तोंडाक खारें वा खळ (तोरां, आंब्राडे, आंवाळे, कणगां ह्या सारकीं फळां मिठाच्या उदकांत घालून, वयर बरें चेंपण दवरतात आनी बरीं करंजेतकच खातात. किल्लाचीं कापांय अशेतरेन खळांत दवरतात.) लावपाची चाल आशिल्ली.

भाताच्या तांदळांसारकीच, वरयांच्या, कांगूच्या वा पाखळांच्या तांदळांचीय पेज करताले.

आयचें युग जरी च्या–कॉफीचें आसलें तरी आजय गांवांत एकाद्रया जाण्टेल्याक सकाळफुडें पेज वा आंबील जेवपाची 'कुय' आयिल्ली दिसता. शेतां–भातांत काम करतल्या कामेऱ्यां–मानायांक आडवेळाची पेज वाडपाची चाल आजय गांवांत आसा.

फाटल्या कांय वर्सांसाकून च्या–कॉफी पिवपाची संवय जरी लोकांमदीं रिगल्या आसल्यो तरी गांवच्या गावडी जमातीचे कांय जाण्टेले आजय च्या वा कॉफी खुंटीच पिवनात. एकातेंपार ह्या समाजांतले लोक दुदाक निशिध्द मानताले ताची ही गवाय जावन आसा.

नासण्यांची भाकरी, तांदळांची भाकरी, पोळे, सान्नां बी लोक च्या वांगडा खाताले. जेन्ना गांवांत गंव उपलब्ध जाले तेन्नाच्यान गंवाची भाकरी, चपाती, रोटी बी खावंक लागले. हळदीच्या वा केळीच्या पानांचेर भाकरी थापून भाजपाची चाल आशिल्ली. अश्यो भाकऱ्यो तव्यार भाजनासतना इंगळ्यांचेर भाजताले. एकातेंपार पेजेच्या कुयांची भाकरी करूनय लोक खाताले.

आज गांवांत पदेराले उंडे, कांकणां, पोळयो, बिस्कुत्यो बी पावल्यांत. गांवांत येवपी पदेर

किरिस्तांव समाजांतले आशिल्ल्यान एकातेंपार हिंदू लोक तांची खाणां खायनाशिल्ले पूण आज लोकांचे विचार बदलल्यात.

कणयारें, उपीट(तीख सांजो), फोव, शेवयो, शिरो ह्या सारके पदार्थय लोक च्या वांगडा खाताले. नाचण्यांचें सत्व वा दुदोळी, तांदळांचें तिजन ह्या सारके पदार्थ घटसाणेखातीर खाताले. ल्हान भुरग्यांक 'कांकणाचो काल्द' जाल्यार व्हडल्यांक 'कोंब्याचो काल्द' घटसाणेखातीर पिवपाक दिवपाची चाल आशिल्ली.

सणा–परबेक परंपरेन करपाचे कांय गोड पदार्थ अशे :

हिंदू समाज

१) फोव – दिवाळी आनी गोकुळाष्टम
२) सान्नां – दसरो आनी धिंडलो पाडवो
३) शेवयो – सप्ताह आनी चैत्रपुनव
४) नेवऱ्यो आनी मोदक – चवथ
५) पातोळ्यो – चवथ, नागपंचम अनी दुसरो श्रावणी आयतार
६) खिचडी – तिसरो श्रावणी आयतार
७) कण्ण – आषाढी आनी कार्तिकी एकादस
८) दोणे वा चुन्नाच्यो नेवऱ्यो – भोंवरी दिसा
९) पोळे – धिंडलो पाडवो आनीक चवथो श्रावणी आयतार
१०) सोजी वा पायस – चवथ, नव्यापंचम, शिगम्या पुनव आनी हेर परबो.
११) वीट – चवथीची पंचम
१२) मुटलीं – पयलो श्रावणी आयतार

किरिस्तांव समाज

१) सान्नां, दोणे, शेवयो – इंत्रूज आनी पास्कां फेस्त
२) पातोळ्यो – सोज्यांव फेस्त
३) नेवऱ्यो – नातलां

किरिस्तांव समाजांत नातलांचे परबेक सगळयांत चड खाणाचे प्रकार करतात. तांतले कांय अशे :

१) नेवऱ्यो
२) वडे
३) बेबींक
४) मांडारे

५) पिमाग्र
६) करमलां
७) वोश
८) वोदोल
९) बुलीमां
१०) घोशे
११) बातक
१२) केक

जेवल्या उपरांत 'मुखशुध्दी' [illegible] चाल आशिल्ली. कांय जाणांमदीं 'कातर्की' खावपाची चाल आशिल्ली. [illegible] वोडपाचीय चाल आशिल्ली.

मुखशुध्दी म्हण आपणायल्ली पान विडो [illegible] दिसता. पान सादे खायनांत तर सुपारी, चुनो, कात, वेळच बी घालून विडो करून [illegible] जाण पानांबरोबर तंबाखूय खाताले. सुपारी मेळिना जाल्यार [illegible] खावपाची चाल आशिल्ली.

एकातेंपार गांवचे दादले गड्डेवगल्यान 'शनचना' [illegible] सुक्यो खोलयो घेवन तांतूत तंबाखू वा धुंगटी घालून विडी [illegible] आस्पतीन बरे आशिल्ले चिलीम, गुडगुडी (झुरझुरी) बी [illegible].

किरिस्तांव समाजांत पान खावपाची चाल नाशिल्ली पूण [illegible] विडी [illegible].

आज पान खावपाची सवय कमी जायत गेल्या मात हिंदू [illegible] लोकांमदीं म्हणजे प्रामुख्यान दादल्यांमदीं विडी शिगाराचें व्यसन [illegible] बरोबर 'सोरो' य आज गांवांत पावला. एकातेपार दिसभर [illegible] उद्देशान सोरो पिवपाची सवय लोकांनी म्हणजे खास करून दादल्यांनी [illegible] व्यसन जावन ती जायत्या जाणांच्या गळ्यांत पडली. आजय [illegible] मानायांक सांजवेळा घरा वतना 'रसांव' (सोरो) दिवपाची वा [illegible].

ई. शिंरगार

पूर्विल्ल्या काळावयली बायलमनीस मोटे कलात्मकतेन आनी [illegible] शिंरगारताली म्हणपाचे दिसून येता. आपले सामाजिक आनी आर्थिक परिस्थितीक [illegible] आनी आपल्या भोंवतणच्या [illegible] उपलब्ध आसात अशोच वस्ती ती आपल्या [illegible] – [illegible] वापरताली. पूण ह्यो वस्ती वापरतनाय आपलें रूप आनी भलायकी इबाडचीना, उलट ह्यो गजाली आपलें सौंदर्य वाडयतल्यो आनी भलायकी बरी दवरतल्यो हाचेकडेनय तिचें [illegible]

जाणवता.[१]

भारतांतल्या पुरातन शिल्पांनी हाचे दाखले पळोवंक मेळटात. 'कोर्णाक' हांगाच्या शिल्पांनी तर बायलमनीस शिरंगार करतानाचीं प्रात्यक्षीकां पळोवंक मेळटात.[२]

पुरातन सौंदर्यशास्त्रात शिरंगाराचे सोळा प्रकार सांगल्यात ते अशे : आंग मालीश करप, वटणें लावप, न्हावप, लेप लावप, केंस वळोवप, काजळ घालप, ओंठ रंगोवप, न्हेसण न्हेसप, फुलां माळप, अळंकार घालप, हात रंगोवप, पांय रंगोवप, कुकूम लावप, भांग भरप, विडो खावप, हारश्यांत नियाळप.[३]

पूविल्ल्या काळार शिरंगाराचे हे प्रकार थोड्या भोव प्रमाणांत दादलेय करताले[४]

वयर सांगलां ते प्रमाण क्रमवार पध्दतीन, सोळा शिरंगार करतना जरी गांवच्यो सगळ्यो बायलो दिसल्योनात तरी शिरंगाराचे हे सोळाय प्रकार गांवांत आशिल्ले हातूंन दुबाव ना. लग्न–कार्यांच्या आनी जात्रा–उत्सवाच्या वेळार हाची प्रचिती येताली.

न्हेसप आनी अळंकार घालप ह्या दोन प्रकारांचेर गांवचे दादले–बायलो चड भर दिताल्यो अशें दिसता.

गांवांत एकाकाळार वापरांत आशिल्ल्या 'न्हेसणांची' आनी 'अळंकाराची' थोडी भितर माहिती अशी :

न्हेसण

सांस्कृतिक परंपरा, हवामान, सामाजिक आनी आर्थिक दर्जो ह्या गजालींनी आमोणें गांवाक सांद्या पूण आकर्शक न्हेसणाचे देणें दिलां. जाती–जमातींच्या भेदाप्रमाण आनी आर्थिक दर्ज्याप्रमाण ह्या न्हेसणामदीं विविधता पळोवंक मेळटाली.

भट–बामणांच्या दादल्यांचें सर्वसादारणपणान न्हेसण अशें असताले :

आंगाक 'पैरण' वा 'अंगरखो', कमराक 'पुडवें' वा 'धोतर', खांदार 'उपरणी' वा 'उपवस्त्र', माथ्याक 'मुंडासो' आनी पायांक 'मोचे'.

नित्याक घराकडेन ते 'आंगी' घालून 'आंगोस्तर' (ल्हान पुडवें) न्हेसताले .

लेंगो, पिजाम, ज्युदी हे प्रकार मागीर एक एक करून भितर सरले.

माथ्याक घालपाचे कांय प्रकार अशे : मुंडासो, रूमाल, फेटो, पगडी, पागोटें, तोपी.

पांयतणाचे कांय प्रकार अशे :

चडाव, मोचे, पादुको, खडावो, जोतें, चपलो.

धोतराच्या भितर दादल्यांनी 'काश्टी' वा 'लंगोटी' न्हेसपाची चाल आशिल्ली.

हेर जातीच्या दादल्यांचो भेस अंगरखो, धोतर, मुंडासो [illegible] बदलाक ते 'सटको' (वालो वा तुवालो) वापरताले.

गांवचे चडशे दादले सर्वसाधारणपणान दिसभर शेतां-भाटांत वावरां [illegible] आनी कश्टाचीं कामां करपी आशिल्ल्यान ते दिसभर काश्टेचेरूच वावुरतना दिसताले. [illegible] लग्न-कार्याच्या वा सणा-परबेच्या वेळार तांच्या आंगार [illegible].

किरिस्तांव समाजांतले दादले हेवूय शेतां-भाटांत वावरां करपी आशिल्ल्यान तेवूय दिसभर काश्टेचेरूच वावुरताले पूण काश्टेखातीर ते खाशेलो 'तांबडो लेंस' वापरताले.

गोडवीं कालसांवां घालपाची चाल पयलीं किरिस्तांव समाजांत दिसली, [illegible] हेरांनी उखलून धल्ली. गोटव्या कालसांवांची जागो उपरांत लांब कालसांवांनी घेतली. [illegible] 'खोमीस' वा 'बुशकोट' घालपाची चाल ह्याच काळार सुरू जाली.

हिंदू बायलांगर्दी भटां- बामणांच्या बायलांचें न्हेसण चड आकर्शक आशिल्लें. [illegible] आनी जरीचे देगेचीं, णववारी कापडां त्यो 'कास' घालून न्हेसताल्यो. [illegible] त्यो घालताल्यो. लांब हातांचे फाटभर जावपी 'पोलके' [illegible] सदांच फाटभर पांगुरिल्लो आसतालो. घरांतल्यान भायर सरतना त्यो '[illegible]' वा '[illegible]' पांगुरताल्यो.

बायलांनी अंतवस्त्रां वापरपाची चाल हालींच सुरू जाली.

एकातेंपार वापरांत आशिल्ल्यो कापडयांच्यो कांय जाती अश्यो :

रामगुजरी, कृष्णगुजरी, पांचवो तपशिलो, काळी चंद्रकळा, [illegible], [illegible], [illegible] पेठी, चुनडी.

हिंदू समाजांतल्यो, गावडी जमातीच्यो बायलो णववारी कापडां 'देंठलीं' पध्दतीन न्हेसताल्यो. पूर्विल्ल्या काळार देंठली पध्दतीन न्हेसपी बायलो आंगाक 'चोळी' घालनाशिल्ल्यो पूण हे पध्दतीन कापड अशेतरेन न्हेसप जातलें की चोळी घालनासतनाय हड्ड्याचो पुराय भाग लिपतालो.

किरिस्तांव समाजांतय गावडी जमातीच्यो बायलो देंठली पध्दतीन कापड न्हेसताल्यो पूण तांणीं न्हेसपाचीं खास अशीं कापडां आसतालीं. तीं कापडां दुसऱ्यो बायलो न्हेसनाशिल्ल्यो.

आज आमोणें गांवांत 'देंठली' घालपी एकूय हिंदू बायल मेळना. किरिस्तांव समाजांत [illegible] एकच बायल देठली न्हेसपी मेळटा. सगळ्यांनी आज नवे मोदीचीं न्हेसणां न्हेसपाक सुरू केल्यांत.

किरिस्तांव धर्मांतल्यो हेर जातीच्यो बायलो एका तेंपार पांचवारी साडी '[illegible]' पध्दतीन न्हेसताल्यो. आज तांच्यो विधवा बायलो लेगीत 'व्हिस्तीद' घालपाक फाटीं नात.

किरिस्तांव धर्मांत, माथ्यार 'ओल' (ओडणी) आसल्या शिवाय न्हेसप पुराय जायनाशिल्लें. ही ओल धव्या रंगाची आसताली. आजय जाणट्यो बायलो वोल माथ्यार घेतल्याशिवाय इगर्जेंत वचनात.

हिंदू समाजांत, चल्या भुरग्यांक खोमीस, तोपी, वालो असो भेस केल्लो दिसतालो. चली

भुरग्यांक , 'घागरो–पोलको' घाल्लो दिसतालो. साय–पोलक हें घागऱ्या पोलकाचें सुदारीत रूप. किरिस्तांव समाजांतय चली भुरग्यांक घागरो–पोलको घालताले.

सामक्या ल्हान भुरग्याक आंगलें, तोंपरें, खोगशी, लंगोटी असले कपडें वापरताले.

अळंकार

तरेकवार प्रकारांच्या आनी आकारांच्या अळंकारांनी आपलें आंग शिरंगारावपाची चाल दादल्या–बायलांमदीं आशिल्ली. शरीराच्या वेग–वेगळ्या भागाक घालपाचें अळंकार वेग–वेगळे आसताले. ह्या अळंकारांचें खरें दर्शन घडटालें तें लग्न–कार्यांच्या वेळार. भांगर, रूपें, मणी, पिड्डुको, मोतयां, माणकां, पोवळीं, वज्रां, थिकां, नील, पांचू, केम्प बी वापरून हें अळंकार कलात्मक रितीन घडयल्ले आसताले. तांब्या–पितुळचेय अळंकार लोकांच्या आंगार दिसताले. भांगराचे मोटे मणी बी करपाचे आसल्यार ते लाखेचे करून तांकां भांगराचो गिलीट दिवपाची चाल आशिल्ली.

बायलो कंवचेचीं तरेकवार कांकणां हाताक घालतालीं. ह्या काकणांचे कांय प्रकार अशे : राजवर्खी कांकणां, फोल्गी कांकणां, पिटपिटीं कांकणां, रस्मी कांकणां, काजू कांकणां.

गावडी जगातीच्या लोकांकडेन पयलींसाकून भांगराचे अळंकार कमी. तांच्यो बायलो हाताच्या कोपरामेरेन तरेकवार धातूंचीं कांकणां घालताल्यों. तरेकवार मणी आनी पिड्डूको वापरून केल्ल्यो माळो ताणीं गळोभर घाल्ल्यो पळोवंक मेळटाल्यो.

हिंदू समाजांतल्या बायलांकडेन एकाकाळार मेळपी अळंकारांचीं नांवां अशीं :

माथ्याक : गुळकी, गंडभैरव, गुलाबफूल, शेंवतें, चांदली, साळकां, चाफीं, तुरो, चाफ्यांआटी, परडी, सुरंगां वळेसर, केगद, कुट्टरें, कडकडीं फुलां, चंद्र, पोके, आंबाड्या–जाळी, भांगरा–गांच, विणी वा विणयेवयलें, गोंडे, झिरकमळ.

कानांक : (कान चार कडेन तोंपपाची चाल आशिल्ली.)
कानाचे पाळयेक : वेडी, फुलां, चंद्र, वट्टू, बेकळां, मुदयो, डूल, लांबतीं कानांतलीं.
वयल्या बुराकांत : बुगडी, पिलयो, गांठी, बालयो, सरपळी.
पाळी आनी वयलो बुराक हांचेमदीं : कालाफुरां.
कानसुलांक तेंकून : घुमल्यो वा घुमो.

ह्या अळंकारांशिवाय 'कान' (कानाकृती) करताले.

नाकाक : (नाक दाव्या बाजून तोंपताल्यो)

वाळी, नथ, दांडो, शेकले (गावडी नगानीच्यो [illegible]), [illegible]

पिल्ली नरेकलार प्रकारनी करनाये [illegible] पिल्ली, [illegible] एका थिकानी पिल्ली, सात थिकानी पिल्ली, [illegible] पळोवंक गेळटाले.

गळयाक : गोठनगाळ, बोरगाळ, फुगडोर, टुशी, [illegible] गाळ, गंवांची गाळ, चंद्रहार, कळयांची हार, [illegible] वज्रथिकां, नलगणयांची गाळ, पोवनांचे गांठले, [illegible] गाळ, गुयेदांचें गांठलें, शेळी, मोतयांची गाळ, [illegible]

कमराक : कडें, कगरपटो, पटो चावयेर, चावयां भोग.

भुजांक : बाजुबंद, बावुकरी, नागमोडी, वेळ, कडें.

भांगात : भांगतिळो.

हाताक : गोट, पाटल्यो, तोडो, आनी कांकणां.

हे अळंकार हाताक कशे घालप हाचोय एक क्रम [illegible] ताच्या गुखार 'पाटली'. गदीं कांकणां आनी सागळ्या गुखार [illegible] कवचेचीं कांकणां भरसून घालतालीं.

गोट दोट्टी वा एकोडो जसो आपल्याक तांकता तशो करतात.

पाटल्यांचे कांय प्रकार अशें : तोडीची पाटली, सकयांची पाटली, [illegible] पाटली.

आपल्याक तांकता त्या प्रमाण एका एका हाताक दोन, तीन, चार, [illegible] घालतालीं.

कांकणांचे काय प्रकार अशें :

वाखांचीं कांकणां, गुळ्यांचीं कांकणां, रव्याची कांकणां, [illegible] कांकणां, जाळयेचीं कांकणां, कुसांचीं कांकणां, मोतयांचीं कांकणां, [illegible] कांकणां, हस्तीदंतांची कांकणां.

तोडयाचे कांय प्रकार :

लसणी बियांचो तोडो, घुडाचो तोडो, साळकांचो तोडो, मोतयांचो तोडो.

हातांच्या बोटांक : नागमोडी, सातफेन्यांची, पिंपळ पानाची, साळकाची, मोतयांची, थिकांची, पोवळ्यांची अशा तरेक प्रकारच्यो मुदयो.

हाताच्या चपक्यार घालपाखातीर दसंगण.

पांयांक : पांयांक भांगराचे अळंकार घालूंक जायनात असो समज आशिल्ल्यान पांयांक घालपाचे सगळे अळंकार चांदिचे वा हेर धातूचे आसताले.

पावलांक घालपाचे कांय अळंकार अशे : पांयजणां, झंझर, तोडे, लुलां.

पायांच्या बोटांक : वेडे, मुदयो, माशे, मासोळ्यो, पोलारे, फुलां, बिंदलां, विंचां, किरांगुळां, सलीं.

हिंदू समाजांतल्यो बायलो 'मणी' ह्या अळंकाराक आपल्या आयावपणाचें प्रतीक मानतात. तेच परीन किरिस्तांव समाजांतल्यो गावडी जमातीच्योय बायलो मानतात.

किरिस्तांव समाजांतय एकातेंपार अळंकाराचे विवीघ प्रकार मेळटाले. तांचीं अशीं खाशेलीं नांवां आशिल्लीं. ह्या समाजांतल्यो बायलो नाक तोंपनाशिल्ल्यो देखून तांचेकडेन नाकाक घालपाचे अळंकार मेळनाशिल्ले.

'कोंत' हो किरिस्तांव गावडी जमातीच्या बायलांनी गळयांत घालपाचो खाशेलो अळंकार. ह्या अळंकाराक पांच, सात, णव अशीं 'जेजूचीं काळजां' (काळजाच्या आकाराचे मणी) घालतात. जांकां शक्य आसा त्यो बायलो हीं काळजां भांगराचीं करून घेतात. ह्या कोंताक मदीं 'खुरीस' घालपाची चाल आसा.

किरिस्तांव समाजांतल्यो बायलो वापरताल्यो ते कांय अळंकार अशें :

गळ्याक : सरपळी
कानाक : काराब, फुलां, बेकळां, वेडी, मुदयो, पेनेती, लांबतीं कानांतलीं.
हाताक : मोठी कांकणां, बारीक कांकणां, पाटल्यो.
हाताच्या बोटाक : मुदी.

ह्या शिवाय वेगळो 'जोग' (Set) आसतालो.

(भांगराची कांकणां कंवचेच्या कांकणांमदीं भरसून घालनासतना, सगळीं कंवचेच्या कांकणांच्या मुखारच घालपाची चाल आशिल्ली.)

हिंदू समाजांतल्या दादल्यांचे कांय अळंकार अशे :

शिकबाळी, पेटी, वंडकडें (शिंवाकडें), गोले, चौकुडो, कंठी, हार, [illegible], मुदी, [illegible]

किरिस्तांव समाजांतल्या दादल्यांचे कांय अळंकार अशे :

सरपळी, मुदी, पेटी, मासकोत.

भुरग्यांच्या अळंकारांचीं कांय नांवां अशीं :

घागरपाट, गांठलीं, आंवाळे (बिगलां आवाळे), वाळे, [illegible], [illegible], [illegible], मणकुट्यो, पदक, जनऱ्यो, आंबलो, राजकडीं, कडे, पिंपळपान, पेटी.

ह्या अळंकारामदले 'आंबलो आनी राजकडीं' ह्या सारके अळंकार खास चल्यां भुरग्यांक जाल्यार 'पदक आनी जनऱ्यों' चली भुरग्यांच्यो.

शिंरगाराचे हेर प्रकार

कलात्मक रितीन केंसांच्यो तेरकवार मोदी करपाची मक्तेदारी भटां-बामणांच्या बायलांची हेर जातीमदीं कलवंत जातीच्यो बायलो आपल्या नटपा सजपाकडेन चड लक्ष दितात्यो.

केंसांच्या प्रकारामदले कांय प्रकार अशे : सर्वसादारणपणान बायलो केंसांची गांठ घेवन सादेच पध्दतीन 'खोपो' घालपी पुण लग्नकार्यांच्या वेळार, लोळयांचो आंबाडो, विणयांचो आंबाडो, लिवण्यांचो आंबाडो अशेतरेचे केंसांचे प्रकार करतात्यो.

चलयो तरेकवार प्रकारच्यो फांतयो, विणयो, घोडयाशेपडी, लेंठी, चंद्र, [illegible] अशेतरेंचे केंसांचे प्रकार करतात्यो.

केंसांक फावो तें वळण दिवपाक मेळचेखातीर आनी माथें थंड उरून केंसांचेय बरी वाड जावपाखातीर दादले–बायलो तेल घालून केंस मालीश करतात्यो. सर्वसादारणपणान 'खोबरेल्लच' वापरताले पूण जांकां शक्य आशिल्लें ते बरीं सुवासीक तेलां वापरताले.

लिगां, गांच, जाळयो, गंगावनां, गुठले, लिवणीं, गोंडे, तीर ह्या सारक्यो वस्ती केंसांच्यो मोदी करपाखातीर बायलो वापरतात्यो.

वयर सांगल्यांत ते तरेन केंसांचे प्रकार करून तांचेर फुलांय माळटात्यो. हाचे दोन फायदे जाताले. एक म्हणजे त्या फुलांनी तांचें माथें अदिकच आकर्शक दिसतालें आनी फुलांच्या परमळान माळपी तशेंच तिच्या म्हऱ्यांत वावुरतल्याचेंय मन उत्तेजींत जातालें.

भरपूर झिगझिगी, रंगीत बेगड, बोकडयाचीं पानां, पातीचीं केंसरां, शब्द्याचीं पानां बी वापरून फुलां आकर्शक पध्दतीन गुंथतालीं.

आबोलीं, शेंवतीं, गुलाब, रोजां, बुतांव, रामुलो, चिड्डो, चमेली, अनंत, सदानंद, जायो, जूयो, मोगरीं, (सादीं मोगरीं, नित्यमोगरीं, बटमोगरीं, कस्तूरमोगरीं) वेलूद, पेत्रोल, अडुसो, पारदक, दसण, चाफीं, कंसकाटी, गोटलां, कारवां, केंसरां, गवळणी, वोंवळां, कांदळां, सुरंगां, साळकां, कांचन, केगद, देवकेळमो, कणेरां, शंकर, कोरनो, धालां, सायली, कुन्नां, कलवंतां ह्या सारक्या फुलांचे फांती, हळी, पटी, झेलो, तुरो, वळेसर, पोड, गोंडो, कमळ अशेतरेन जशे प्रकार करप शक्य आसा तशे करून बायलो तीं फुलां केंसांत माळटाल्यो.

किरिस्तांव समाजांत गावडी जमातीच्यो बायलो भरपूर फुलां माळपी. आट्टून–तट्टून मानेवयर मोठो 'शेंडो' घालप आनी ताचेर रोजांचे, शेंवत्यांचे वा आबोल्यांचे मोठे झेले माळप हो तांचो सोंस.

किरिस्तांव समाजांतल्यो हेर बायलो मात फुलां माळनाशिल्ल्यो.

जित्या फुलांबरोबर जात्रा–फेस्तांनी विकूंक येवपी कागदी फुलांय माळपाची चाल आशिल्ली.

हळद– चदंनाचो वस्त्रगाळ पिठो करून एकातेंपार बायलो तोंडाक सारयताल्यो. हातांचे तळवे आनी पावलां मेथयेन रंगयताल्यो. दोळ्यांक काजळ घालताल्यो.

'आडव्या' (शैव) काय 'उब्या' (वैष्णव) कुळाच्यो सवायशिणी आसात तें पळोवन बायलो 'आडवो' वा 'उबो' कुकूमाचो तिळो लायताल्यो. कपलाक लायिल्लो कुकूम (पिंजर) झडनये म्हण पोंदाक खास मेण्टेलाचें बोट तेंकयताल्यो.

एका काळार हिंदू समाजांत सरसरकट सगळ्या जातीचे दादले केसांचो 'भोवरो' करून 'शेंडी दवरताले.

पयलीं हिंदू–किरिस्तांव दोनय समाजांत दादल्या–बायलांनी पाडून (गोंदून) घेवपाची चाल आशिल्ली. आपली कुळचिन्नां, देवाच्यो आकृत्यो बी मुखेलपणान पाडून घेताले. ह्या पाडून घेवपा फाटल्यान जरी आंग शिंरगारपाचो उद्देश आसलो तरी मुळाक वेगळो समज आशिल्लो. गांवचे लोक मानताले की, मनीस मरतकच जेन्ना सगींत वता तेन्ना धर्तेवयल्यान कितें बरोबर घेवन आयला काय म्हण देव ताका प्रश्न विचारता. त्या वेळार अशेतरेन पाडून घेतिल्लें आपल्या आंगार आशिल्लें पाचवें–काळें चिन्न ताका दाखोवंक मेळटा. जर अशेतरेचें चिन्न दाखयलें ना जाल्यार रागान देव ताका दागता असो समज आसा.

शिंरगाराच्या सोळा प्रकारांपैकी पयले दोन प्रकार म्हळ्यार आंग मालीश करप आनी वटणें लावप. आमोणें गांवांतय हे दोनय प्रकार आशिल्ले. दिवाळे सारके परबेक ते खाशेल्यापणान आजय दिसतात.

टीप :

प्रकरण : १० (ई)

१ – लोकप्रभा दिवाळी अंक १९९०

२ – लोकप्रभा दिवाळी अंक १९९०
३ – लोकप्रभा दिवाळी अंक १९९०
४ – लोकप्रभा दिवाळी अंक १९९०

उ) सामाजिक आनी आर्थिक बदल

आगोणें गांवांतलें गावडी जमातीचें घराणें हें गांवकाराचें घराणें आशिल्ल्यान ताका मस्त गांवांत मान आसा.

पूर्विल्ल्या काळार गांवच्या झगडीं– झुजाचो निवाडो 'गांवपण' आपोवन करताले. आज खाजगी झगड्यांखातीर गांवपण आपोवपाची चाल बंद पडल्या, फकत गांवच्या भौतिक हितासबंदी कितेंय निर्णय घेवपाचो आसल्यार गांवपण आपयतात.

एकाकाळार गांवचे गावडी जमातीचे लोक भट–बामण सोडून हेर जातींच्या घरांनी जेवनाशिल्ले. जेवपाचेंच आसल्यार स्वता रांदून जेवताले. देखून गांवांत लग्न– कार्यां सारक्या प्रसंगांनी रांदपा– वाडपाची जबाबदारी गावडी जमातीच्यो बायलो सांबाळटना पळोवंक मेळटालें. पूण ह्या जेवणाक जर चुकून एकाद्रो आपुडत जाल्यार उपाशी पोटार घरा वचूंकय हे लोक काटी सरनाशिल्ले. आज परिस्थिती बदलल्या. ह्या जातीचे लोक आज उगडपणान गांवच्या हेर जातींच्या घरांनी खातात–जेवतात. आपल्या पूर्वजांनी जाका निशिध्द मानिल्लें त्या कुकडाची शागोतीय खातात, सोरो लेगीत पितात.

भट–बामण जातीचे लोक गांवच्या हेर जातींगेर जेवनाशिल्ले, तांगेर उदक लेगीत पिनाशिल्ले. तांकां आपुडल्यार न्हाताले. आपल्यागेर वावरा–धंद्याक येवपी ह्या जातींच्या लोकांक ने भायर पत्रावळीचेर वाडटाले. कट्टेंत वा दोण्यांत उदक पिवपाक दिताले. जेविल्ल्या जाग्यार तांकां शेण काडपाक लायताले. वावराडेन घाशिल्लीं आयदनां वा उमळिल्ल्या कपड्यांचेर शेणाचें शिंतोडो वडोवन धुवन घरांत घेताले. म्हारान हाडिल्लें म्हारवत आनी कुमारान हाडिल्लें कुमारवतय शेण घाल्याशिवाय भितर घेनाशिल्ले.

आज स्थिती वेगळी जाल्या. आज बामण गांवच्या हेर हिंदूगेर जेवतात, हेर जातींच्या लोकांकय तांच्या रांदचेकूडी मेरेन प्रवेश मेळ्ळा. गांवचे भट मात आजुनय गांवच्या हेर जातींच्या घरांनी जेवपाक लागले नात पूण च्या आनी सुको फराळ तांगेर खावपा इतके संबंद तयार जाल्यात. गांवांत जरी कोणागेर जेवना आसले तरी नोकरी –धंद्याच्या निमतान शारांनी पाविल्ली तांची तरणाटी पिळगी आज बिनदिक्कत खानावळी–हॉटेलांनी खावपाक लागल्या.

म्हार– चामारांगेर पयलीं कोणच–खायना जेवनाशिल्ले. ताचें वारें आंगावयल्यान गेल्यार लेगीत न्हाताले. एका तेंपार मडवळांगेरय जेवप निशिध्द मानताले. आज ही परिस्थिती बदलूंक लागल्या.

पयलीं हिंदू समाजांतले लोक किरिस्तांव समाजांतल्या लोकांक आपुडल्यार न्हाताले, हिंदूंच्या

घरांचे पडवेर लेगीत तांकां भितर सरपाक मेळनाशिल्लें. आज भटांच्या घरांचो आडवाद सोडल्यार हेर घरांच्या रांदचेकूडी मेरेन तांकां प्रवेश मेळूंक लागला.

किरिस्तांव समाजामदीं जाती–भेद आसा. आमोणें गांवांत किरिस्तांव बामण नात पूण चाड्डे आसात. हे चाड्डे आपल्याक 'सुदीर' जातीपरस वयर मानतात. ह्या समाजांतले गावडी जमातीचे लोक पयलीं दुकर–कुकड खावपी लोकांगेर जेवनाशिल्ले.

आधुनिक शिक्षणाचे नदरेन गांवांत शिकिल्ल्यांची टक्केवारी साप उणी. दोनय धर्माच्या गावडी जमातीमदीं तर शिक्षणाचें वारें खूबच उसरां पावलें. दादल्या–बायलांच्या शिक्षणामदीं टक्केवारी घालीत जाल्यार ते मदीं मात व्हडलोसो फरक दिसचोना. हाचें कारण म्हणजे गांवांत शिक्षणाचें वारें खूब उसरां जरी पावलें तरी तें येतना आपल्या बरोबर बायलांच्या शिक्षणाची चळवळ घेवनच आयलें.

आधुनिक शिक्षणाचे नदरेन गांवांत शिकिल्ल्यांची टक्केवारी जरी साप उणी आसली तरी जे शिकलेनात तांकां आमच्यानी अनाडी म्हुणू नज. आपल्या भोंवतणच्या सैमाकडल्यान, आपल्या पूर्वजां कडल्यान आनी जिणेंतल्या बऱ्या–वायट अणभवांतल्यान गिन्यानाचें व्हडलें भांडारच ताणीं आपले गांठीक बांदून दवरलां.

आमाणें गांवांत मुळावें शिकप दिवपी आज दोन शाळा आसात, एक खुद्द् आमोण्यांत आनी दुसरी कटो वाड्यार. ह्या दोनय शाळांनी मराठी माध्यमांतल्यान शिकयतात. एकोणतीस वर्सां आदी गांवांत जेन्ना मुळावें शिकप दिवपाक सुरवात जाली तेन्ना शाळेची स्वतंत्र इमारत नाशिल्ली. त्यावेळार गांवच्या जल्म्याच्या मठांत वर्ग भरताले. कांय तेंपान मागीर वशिष्ट गोत्री भटांच्या घराचे पडवेर शाळा भरूंक लागली. १९६७ वर्सा खुद्द आमोण्यांत शाळेखातीर स्वतंत्र इमारत बांदली.ह्या काळारच कटो वाड्यारय शाळेची नवी इमारत बांदली.

माध्यमिक शिकप दिवपी शाळा मात आजुनय आमोण्यांत ना देखून गांवचीं भुरग्यां अवेडें गांवांत वा कुसमण गांवांत आशिल्ल्या माध्यमिक शाळांनी शिकप घेवपाक वतात. कुडचडें वा मडगांव शारांतल्या माध्यमिक शाळांनींय शिकप घेवपाक वचपाक सुरवात जाल्या.

उच्च माध्यमिक शिकप घेवपाची सोय गांवांत ना पूण १९८९–९० वर्सा आमोणें गांवचे शिमेभितर येवपी 'संची गाळ' नांवाचे मड्डेर वीज खात्याचे इमारतींत तात्पुरती गरज म्हण कला आनी वाणिज्याचें सरकारी महाविद्यालय सुरू जाल्ले, ह्या महाविद्यालयाची स्वतंत्र इमारत आज शेळडें गांवांत उबी जाल्या.

गांवांत वीज पावल्यार वीस वर्सां जातलीं, तशेंच भौशीक नळाचें उदक पावल्यार सात वर्सां जालीं. दोन वर्सां आदी गांवांत खाजगी नळय पावले.

सामक्या पूर्विल्ल्या काळार गांवच्या लोकांक न्हंयेच्या उदकाचेरूच विसोवन रावचें पडटालें. पावसाच्या दिसांनी जेन्ना न्हंयेचें उदक खदूळ जातालें तेन्ना उदकाखातीर लोकांक खूबच धांवा–धांव करची पडटाली. पावळेचें वा शेतांत उमळिल्ल्या झरींचेंय उदक लोक त्यावेळार खावपाखातीर वापरताले. लोकांचे हे हाल पळोवंक नज जावन वशिश्ट गोत्री भटान आपली बांय लोकांखातीर उक्ती केली. हे बांयचे कुशीक ब्रह्म्याचें देवस्पण आशिल्ल्यान किरिस्तांवांक थंय वचूंक

गेळनाशिल्लें पूण गांवचे हिंदू तांकां उदक काडून घालताले. ह्या पंचवर्षांत मदीन, सरकारी ग्रामविकास येवजणेखाला गांवांत तीन शौशीक बांदो उबो मारली आनी लोकांचे हाल दूर जाले. आज गांवांत शौशीक आनी खाजगी दोनय तरेचें नळांचें उदक पावियल्यान ह्या समस्सेचेर जाप काडी जाता.

एकाकाळार गांवांत असल गांवगिरी कोंकणी भास उलयताले. आज ते बोलयेचो थोडो भोव प्रभाव गावडी जमाती मदींच आशिल्लो दिसता. भट 'भटीभास' उलयताले. कोंकणांत आनी देशांत दोनय भट घराण्यांचे बोली-भाशेमदीं फरक दिसतालो. भटीभास मराठी भाशेकडेन लागींची आशिल्ली वा एकेतरेन तांची भाशा मराठीच आशिल्ली म्हणप बरोबर जातलें. भायल्यान हालबाडांची भाशा कोंकणी भाशेकडेन प्रामाणीक आशिल्ली. तरी पूण तांचे भाशेन संस्कृत उतरां खूब मेळटालीं. भट--बामणांकडेन चड संपर्क दवरून आशिल्ल्या कळवंत बन्ने जातींची बोली गावडी जमातीच्या लोकांचे बोलयेपरस बरीच वेगळी आशिल्ली.

जाती जाती मदीं जरी उलोवपाचे बोलयेत फरक दिसलो तरी सर्वसाधारणपणान गांवच्या लोकांचे बोलयेक आपलें अशें एक खाशेलेपण आशिल्लें. पेडणेकारां इतक्या चड हेळ्यान न्हय आनी साश्टीकारां इतक्या वेगान न्हय असे मदले गतीन लोक उलयताले. आज शारी लोकांकडेन येवपी संबंदांक लागून आनी शिक्षणाच्या प्रभावाक लागून गांवची मुळची बोली वेगान बदलत आसा. 'हाका – ताका', 'हाणें–ताणें' म्हणपाची धवाडयांची भाशा आज गावडी जमातींतल्यान गेल्या. "फसकलास दिसता म्हरे!" वा "तेका चान्स दी म्हरे!" अशें तरेचीं उतरां आज गांवच्या अशिक्षित जाण्टेल्याच्याच तोंडांतल्यान आयकूंक येतात. घरांत इंग्लीश भास उलोवपाची धवाडयांची संस्कृतीय आज हळू हळू गांवांत रिगूक लागल्या. किरिस्तांव समाजान तिका पयलीं येवकार दिलो जाल्यार हिंदू समाजान आपल्या घराचीं दारां हालींच तिच्या स्वागताक उक्तीं केल्यांत.

गांवचे सामाजिक परिस्थितींत जसो बदल घडूंक लागला तसोच आर्थिक परिस्थितींय घडिल्लो दिश्टी पडटा.

पूर्विल्ले ग्रामवेवस्तेप्रमाण आमोणें गांवच्याय प्रत्येक जातीच्या लोकांचे वेवसाय थारायिल्ले आशिल्ले. देखून गांवची आर्थिक वेवस्ता एके थारावीकच फास्केत बशिल्ली दिसताली. आज ही फास्की मोडून गांवची आर्थिक वेवस्ता एके नवे दिशेचे वाटेक लागिल्ली पळोवंक मेळटा.

हिंदू आनी किरिस्तांव दोनय समाजांतल्या गावडी जमातीच्या लोकांचो 'शेतकाम' हो मुखेल वेवसाय आशिल्लो. ह्या शिवाय बांय खणप, मातयेच्या घरांक थोर घालप, वीट करप ह्या सारक्या कामांनीय दादले पारंगत आशिल्ले. हे जमातीच्यो हिंदू समाजांतल्यो बायलो शेतां–भाटांच्या वावराक घोवांबरोबर घोळटाल्यो (नांगर धरप वर्ज्य मानताल्यो.) तेच बरोबर सान्नी–पत्रावळी करून आपल्या संवसाराक हातभार लायताल्यो. किरिस्तांव समाजांतल्यो ह्या जमातीच्यो बायलो भाडेलपणय करताल्यो.

गांवच्या थाणगी घराण्यान आज 'पाडेलपण' करपाचो वेवसाय आपणायला. 'चिरमुल्यो करप', 'चणे भाजप' ह्या सारके धंदेय ताणें कांय तेप केले पूण तांतूत ताका यश मेळ्ळेंना.

गांवच्या भट–बामणांचे तरणे पिळगेन आपल्या पारंपारीक वेवसाया वांगडा हेर क्षेत्रांनीय

नोकऱ्यो धरल्यांत.

कलवंत घराणें खूब काळमेरेन आपल्या पारंपारीक वेवसायाकच चिकटून आशिल्लें. मात आज ह्या घराण्यांतली नवी पिळगी नोकरी–धंद्या निमतान हेर क्षेत्रांनीय पावल्या.

एका काळार बन्नें घराण्यांतल्यो दादले– बायलो भटांगेर घोळटाल्यो. आज मात ह्या घराण्यांनी भटांच्या घराण्यांकडले आपले वावराचे संबंद तोडून वडयल्यात. फाटल्या तीस– पस्तीस वर्सांत, खाजें करप, फोव करून विकप, मेस्तपण करप, दर्जीपण करप अशे कितकेशेच धंदे ह्या घराण्यांनी करपाचे यत्न केल्यात.

नायक जातीचीं घराणीं हीं मुळाक शेतकार घराणीं. हालींच्या तेंपार ह्या घराण्यांतल्या खुबशा पुतांनी नुस्तें विकपाक (धरपाक न्हय) सर्रास सुरवात केल्ली दिसता.

किरिस्तांव समाजामदीं 'चाड्डे' हे मुळाक वेपारी आशिल्ल्यान ताणीं मुखेलपणान भाट–बेंसां घेवन ताचे येनावळीचेर आपलो चरितार्थ चलयलो. सुदीर हे मुखेलपणान रेंदेर आशिल्ले. तांच्या फाटल्या वेवसायाचो प्रभाव आजय तांच्या वेवसायाचेर आशिल्लो पळोवंक मेळटा.

गांवची एकंदर स्थिती अभ्यासत जाल्यार आज गांवांत कोणच आपल्या पारंपारीक धंद्याक चिकटून ना हेंच सत्य दिश्टी पडटा. शिकिल्ल्या तरणाटयांनी आज एक तर शारांनी नोकऱ्यो धरल्यांत वा नवे पध्दतीचे तांत्रिक (Technical) आनी यांत्रिक (Mechanical) वेवसाय सुरू केल्यात.

एका तेंपार पुराय चंद्रवाडींत जाचो वचक आशिल्लो त्या आमोणें गांवची मदल्या काळात आर्थिक परिस्थिती खूबच वायट आशिल्ली. आज ती परत सुदारूंक लागल्या. हिंदू–किरिस्तांव दोनय समाजांतली तरणाटी पिळगी आज आखाती देशांनी वचून वा तारवांचेर नोकरी करून पयशे जोडून हाडूंक लागल्या. किरिस्तांव समाजांत तर 'घराक एक पूत' अशेतरेची नोकरी करतना दिसता.

निमाणें, भौगोलीक दृश्ट्या गांवांत झाडां–पेडां खूब दिसलीं तरी शारी जिणेपध्दतीकडेन आमोणें गांव वेगान नातें जुळोवंक लागला.



१. म्हालजल्म्या मठ



२. कलवंतामठाचे अवशेश



३. म्हालजल्मी



४. म्हालखुटी

५. मुदेश्वर

६. म्हालखांब

८. शेटकारांची काळंबा



७. म्हालब्रह्म्या मठ



९. कट्यावयली मुळघुडी



१०. कट्यावयली सांतेर



११. तारीपाणटो



१२. चंद्रेश्वर–भूतनाथाचें देवूळ

१३. रायबंदरकारांलो पुरुस

१४. सिध्दभैरांव आनी काळभैरांव देवांच्यो देवळयो

१५. पर्वतावयली वाग्याची घोल



१६. पर्वतावयलें झाड



१८. भूतनाथ



१७. पेट्टी ढोळी



१९. आदिमकपांतलो भूतनाथ



२०. चंद्रेश्वर



२१. बेताळा देवळाच्या दरवट्यावयली पाटी (आमोणें–दिवचल)



२२. पर्वतावयलो जल्मी



२३. गड्यांक येवपाखातीर होगायतात



२४. गड्यांक मल्लापोंदच्यान काडटात



२५. गणसाबैल



२६. घालां–मांडावयलें दार्तें



२७. बेबकी–फुगडी नाचतात



२८. घिंणलो नाचयतात



३०. पारंपारीक भेसांत गावडी जमातीची एक बायल



२९. थाण्यां–वड



२१. फेस्ताचे पुरसाव

संदर्भ पुस्तकां

१) आत्रे, त्रिंबक नारायण : गांवगाडा, पुणे, वरदाबुक्स, १९१५, पृ. २९५.

२) आपटे, वा. गो. : मराठी भाषेचे संप्रदाय व म्हणी, डोंबिवली, योगेश्वर प्रकाशन, पृ. २५६+३१.

३) उपाध्याय, काशीनाथशास्त्री : धर्मसिंधु, मुंबई, रघुवंशी प्रकाशन १९७९.

४) किंजवडेकर, श्रीपादशास्त्री : व्रत षोडशी, पुणे, ईशावास्य प्रकाशन, १९७२, पृ. ११०.

५) खेडेकर विनायक विष्णु : गोमंतकीय लोककला, पणजी, गोवा दम आनी दीव सरकार. क्रिडा व सांस्कृतिक संचालनालय, १९८०, पृ. १०५.

७) गडेकर, सदानंद : श्री लईराइचे अग्निदिव्य, गोरेगांव, उज्वल प्रकाशन, १९७६, पृ.६८.

८) गर्दे, दि. का. : प्राचीन भारतीय राज्यविचार, पुणे, कॉन्टिनेन्टल प्रकाशन, १९७९ पृ. २५५.

९) गांवस देसाई, म्हाबळू सांतू : गांव–शेळडे, महाल–चंद्रवाडी येथील बारा दिवसांची जत्रा, शेळडे, सुबोध विचार प्रकाशन, १९८२, पृ. १११.

१०) गोडबोले, विवेकानंद : सिंधु संस्कृती व कल्याण, कल्याण, इतिहास संशोधन मंडळ, १९८५, पृ. २१०.

११) चव्हाण उदाजीराव : खजुराहोची मंदिर शिल्पे, कोल्हापूर, शिवाजी विद्यापीठ, १९८२, पृ.९६.

१२) चित्राव, सिध्देश्वरशास्त्री : उपनयन संस्कार, पुणे, भारतीय चरीत्रकोश मंडळ, १९७७, पृ. ४८.

१३) चित्राव सिध्देश्वरशास्त्री : अन्त्येष्टी संस्कार, पुणे, भारतीय चरीत्रकोश मंडळ, १९७७, पृ. १४४.

१४) चित्राव सिध्देश्वरशास्त्री : श्राध्दप्रयोग, पुणे, भारतीय चरीत्रकोश मंडळ, १९७७, पृ. १४२.

१५) चित्राव, सिध्देश्वरशास्त्री : विवाह संस्कार, पुणे, भारतीय चरीत्रकोश मंडळ, १९८७,

पृ. १४६.

१६) जाधव, सुहास : लोकनाट्यस्वरूप, औरंगाबाद, [illegible] प्रकाशन, [illegible], पृ. [illegible]

१७) जोशी, काशीनाथ अनंत : संपूर्ण चातुर्मास, मुंबई, मराठी प्रकाशन संस्था, [illegible] पृ. [illegible]

१८) जोशी, द. दा. : आपले सण आणि उत्सव, पुणे, उत्कर्ष प्रकाशन, [illegible], पृ. [illegible]

१९) जोशी, महादेवशास्त्री : भारतीय संस्कृतिकोश, खंड १ ते १०, पुणे, भारतीय संस्कृतिकोश मंडळ, १९८२२, १९८५, १९६५, १९६७, १९६८, १९७०, [illegible], [illegible], [illegible], १९७९.

२०) जोशी, प्र. न. : विष्णुपुराण, पुणे, प्रसाद प्रकाशन, १९८१, पृ. २७२.

२१) जोशी, प्र. न. : देवी भागवत, पुणे, प्रसाद प्रकाशन, १९८९, पृ. ३८३.

२२) तनय, बाळकृष्ण : हिंदू सण व व्रते, गिरगांव, बलवन्त पुस्तक भांडार, पृ. [illegible].

२३) नरसिंहराव कनुगुरी, वीर वेंकट लक्ष्मी : तेलगु और हिंदी लोकोक्तियाँ, मैसूर, भारतीय भाषा संस्थान, १९७५, पृ. २४३.

२४) नाडगोंडे, गुरूनाथ : समाजशास्त्राची मुलतत्वे, पुणे, कॉन्टिनेन्टल प्रकाशन, [illegible], पृ. [illegible]

२५) पाटणकर, रा. भा. : सौंदर्य मीमांसा, पुणे, कॉन्टिनेन्टल प्रकाशन, [illegible] पृ. [illegible].

२६) पाटील, पंढरीनाथ : भटके भईबंद, पुणे, सुरेश एजन्सी, १९९०. पृ. [illegible].

२७) पेरैरा आंतोनियो : कोंकणीं ओपारींचें भांडार, पणजी, गुलाब पब्लिकेशन, [illegible], पृ. [illegible].

२८) पै, व्यंकटेश दतात्रय : गोमंतकाचा भुगोल – भाग –१, मडगांव, गोमन्त छापखाना, [illegible], पृ. ४४.

२९) बाबर सरोजिनी : वैजयंती, महाराष्ट्र, महाराष्ट्र राज्य लोकसाहित्य समिती, १९८०, २४७.

३०) बाबर सरोजिनी : एक होता राजा, महाराष्ट्र, महाराष्ट्र राज्य लोकसाहित्य समिती, १९६५, पृ. ४९४.

३१) बाबर सरोजिनी : भांगतुरा, मुंबई, महाराष्ट्र राज्य साहित्य संस्कृती मंडळ, १९८३, पृ. १७४.

३२) बाबर, सरोजिनी : भोंडला–भुलाबाई, महाराष्ट्र , महाराष्ट्र राज्य लोकसाहित्य समिती, १९७९, पृ. २६४+२१.

३३) भागवत, दुर्गा : लोकसाहित्याची रूपरेखा, पुणे, वरदा बुक्स, १९५४ पृ. ५४७.

३४) मांडे, प्रभाकर : गांवगाड्याबाहेर, औरंगाबाद, परिमल प्रकाशन , १९८३, पृ. ३४४.

३५) मांडे, प्रभाकर : लोकसाहित्याचे अंतः प्रवाह, पुणे, कॉन्टिनेन्टल प्रकाशन १९७५, पृ. ३०२.

३६) मुळगांवकार अरविंद, तबला, पुणे, साधना प्रकाशन, १९७५, पृ ४२४.

३७) राव देशपांडे, कमलादेवी : गोंयकारांले पडवेर, पणजी, कला अकादमी, पृ. १०२.

३८) वर्दे वालावलीकार, वा. र : येवकार अध्यक्षांलें अुलोवप, मुंबै, गोमन्तक छापखान्याचो धनी, १९४५, पृ १५३.

३९) वर्दे वालावलीकार, वा. र : वलिपत्तनाचो सोद, गुंबै, गोमन्तक छापखान्याचो धनी १९६२, पृ ३६.

४०) वर्दे वालावलीकार, वा. र : गोंयकारांची गोंयाभायली वसणूक, पैलें खंड, मुंबै, गोमंतक छापखान्याचो धनी, १९२८, पृ १७०.

४१) वैदेही, कोळकर : मराठी लोककथाः स्वरूप मीमांसा , औरंगाबाद, सविता प्रभाकर मांडे, १९८७, पृ. २७२.

४२) शणै गोंयबाब : गोमन्तोपनिषत– दुसरें खंड, गिरगांव, गोमन्तक छापखानो १९३३, पृ. ३४५.

४३) शणै गोंयबाब : आल्बुकेर्कान गोंय कशें जिखले? मुंबै, गोमन्तक छापखान्याचो धनी, १९५५, पृ. ९४.

४४) शेट, तुकाराम रामा : गोंयची बालगीतां आनी खेळगीतां, पणजी, गोवा कोंकणी अकादेमी, १९८६, पृ. ६०.

४५) शेणवी धुमे, विनायक नारायण : श्री शांतादुर्गा कुंभारजुवेंकरीण देवस्थान [illegible] इतिहास, मुंबई, सोमनाथ काशिनाथ संझगिरी, १९७७ पृ. ३२.

४६) शेणवी धुमे, विनायक नारायण : देवभूमी गोमंतक, मुंबई, [illegible], १९८८, पृ २७४.

४७) सहस्त्रबुध्दे, प्र. ग : महाभारतांतील नीतीकथा, गिरगांव, [illegible] प्रकाशन, १९८८ पृ. [illegible]

४८) सातोस्कर, बा.द.: गोमंतक : प्रकृती आणि संस्कृती खंड – १ आणि २, पुणे, [illegible] प्रकाशन, १९७९, पृ. तीस + ६१४.

४९) हण्डू, जवाहरलाल और अग्रवाल, स्वर्णलता : लोकसाहित्य स्वरूप एवं सर्वेक्षण, मैसूर, भारतीय भाषा संस्थान, १९८२.

50) APte, Vaman Shivram : The Student's Sanskrit English Dictionary, Delhi, Motilal Banarsidas, 1970, P. 664.

51) Ahuja, D.R. : Folklore of Rajasthan, New Delhi, National book Trust, [illegible]

52) Basham, A.l.: The Wonder that was INDIA, New York, Grove Press, 1977, P. 568.

53) Bedi, sohinder Singh: Folklore Of Punjab , New Delhi, National Book Trust 1971, P. 162.

54) Bhagwat Durga : An Outline of Indian Folklore, Bombay, popular Book depot, 1958, P.69

55) Bhattacharya Asutosh : Folklore of Bengal, New Delhi, National Book Trust, 1978.

56) Bhavnani Enakshi : Folk and tribal Designs of India, Bombay . Taraporevala, 1975.

57) Chaitanya Krishana : Kerala, New Delhi, National Book Trust, 1972.

58) Chettiar, Lakshmanam S.M.L : Folklore of Tamil Nadu, New Delhi, National Book Trust, 1973.

59) Da Fonseca, Jose Nicolau : Sketch of the city of Goa, New Delhi, Asian Educational Services, 1986, P.332 + XXVI.

60) Das, Jogesh: Folklore of Assam, New Delhi, National Book Trust, 1972.

61) DAs, K.B. and Mahapatra LK: Folklore Of Orissa, New Delhi, National Book Trust, 1979.

62) Desai, E.R. : Rural Sociology in India, Bombay, Popular Prakashan, 1978, P.125.

63) Dorson, Richard M: Folklore and Folklife, chicago Univerrsity of chicago press, 1972.

64) Dubash, Peerozsaw Perviz N :Hindoo Art in its social setting, New Delhi, Asian Educational Services, 1979, P.278.

65) Dundes Alan: Study of Folklore, Berkely, University of california.

66) Enthovem, R.E: The Folklore Of Bombay, New Delhi, Asian Educational Services, 1990, P. 351.

67) Frere, Mary : Old Daccan days, New Delhi, Asian Educational Services, 1989, P.224.

68) Goldstern, Kenneth: A Guide to Field Workers in Folklore, London, Herbert Jenkins, 1964.

69) Gomes, Olivinho J.F.: Village Goa, New Delhi, S. Chand and Pvt.1987, P.XI+426.

70) Gomes Pereira, Rui : Hindu Temples and Deities, vol. I, A. Gomes Pereira,Panaji, 1978, P.XXIV+240.

71) Gomes Pereira, Rui : Goa Gaunkari- The Old Village association - Vol. II, Panaji.

72) Handoo, Jawaharlal : Folklore of Rajasthan, Mysore, Central Institute Of Indian Languages, 1983, P.283.

73) Handoo, Jawaharlal : Current Trends in Folklore, Mysore, Institute Of

Kannada Studies 1978. P. 157.

74) Hiriyanna Ambalike : Four Facets oF Karnataka Folklore, Mysore, Chaitra Pallavi, E-95, 1982.

75) Karantha, Shivaram K : Yakshagana, Mysore, Institute Of Kannada Studies, University Of Mysore, 1974.

76) Kosambi D.D: The Culture and Civiliztion Of Ancient India in Historical Outline, New Delhi, Vani Educational Books, 1986 P,243.

77) Leach, Maria : Standard Dictionary Of Folklore Mythology and Ledend, New York, Funk and Wagnall's company, 1950.

78) Moraes, George M. : The Kadamba Kula - A Histoty of Ancient and Mediaeval Karnataka, New Delhi, Asian Educational Services.

79) Parmar, shyam ; Folklore Of Madhya Pradesh, New Delhi, National Book Trust, 1972.

80) Pereira, Braganza A.B. : Etnografia Da India Portuguesa - Vol. I and II, New Delhi, Asian Educational Srvices, 1991, P. 332.

81) Raju, Rama B. : Folklore Of Andhra Pradesh, New Delhi, National Book Trust, 1978.

82) Sharma, Vyathi Gautam : Folklore Of Himachal Pradesh, New Delhi, National Book Trust, 1984.

83) Sinai Dhume, Anant Ramkrishna,
The Cultural History Of Goa, Panaji, Dr. Ramesh A. Dhume, 1985, P.353.

84) Upadhaya, U.P. and UPadhaya Susheela : Buta Worship, Udupi, M.G.M. College, 1984, P.64.

85) Vatsyayan, Kapila : Traditional Indian Theatre, New Delhi, National Book Trust, 1980.

86) Whitehead, D.D. Henry : The Village Gods of South India, New Delhi, Cosmo Publications, 1983, P. 174.

संदर्भ लेख, मासिकां, पत्रकां :

१) कृष्णा ब्रह्माकुमार : आदिदेव ब्रह्मा, पणजी गोमतंक, ताः १९–१–१९८९.

२) गडकरी, माधव : लोकप्रभा दिवाळी विशेष, मुंबई साप्ताहीक, लोकप्रभा, १४ नोव्हेंबर १९९०.

३) चंद्रेश्वर भूं. संस्थान : गौरव ग्रंथ, पारोडे, चंद्रश्वर भू. संस्थान, पृ. १४८.

४) दामोदर संस्थान : स्मरणिका, जांबावली, श्री दामोदर संस्थान, १९६२.

५) नायक ना. भा., सोंदे राज्याचा इतिहास, पणजी, नवप्रभा, ३०–१०–१९८८.

६) परचुरे, श्री. दि. : ऋणानुबंधी, दसरा पणजी, गोमतंक. १०–१०–१९८९.

७) रौप्य महोत्सव समिती : धि गोवा हिंदु असोसिएशनः आजचा व कालचा गोमंतक, मुंबई, सं. चिटणीस – रौप्य महोत्सव समिती, १९५४.

8) Director of census operations, Goa: Census of India 1991, Series-6.

9) District Census Handbook Part XIII-A and XIII-B, Census Of India 1981, Series-29 Goa, Daman & Div.

10) Government of Goa, Daman and Div : Official Gazette Series I. No-47 Panaji, 18th Feb. 1971.

11) Lok sahitya Parishad, Souvenir, Fifth conference, 4th to 6th Jan. 1985.

12) Marg Publications : Golden Goa, Bombay, Marg Publications, 1980.

7123
Folk -> literature
JA4

टीप :

गांवची शीम


वाड्याची शीम

रस्तो

न्हंय

रान

शेतवड



देवूळ

देंवचार

कपेल

थाणें

आंवड

गड्यांमांड

पेड

होळयेलेम

